

# भगवद् गीता संस्मरण

कोंकणी भाशेंतु एक उपन्यास

नागेश द. सोंदे

# भगवद् गीता संस्मरण

नागेश द. सोंदे

# *भगवद्‌ गीता संस्मरण*

२०११

प्रकाशक :

नागेश दत्तात्रेय सोंदे
३१८, राहेजा क्रेस्ट – ३,
लिंक रोड, अंधेरि पश्चिम,
मुंबयि – ४०० ०५३

टेलिफ़ोन नं. २६३५ २७४३ – ४४

मोल २५0 रुपये

# आदर समर्पण



## श्री बाबुराव भट कुमठेकर

१९१० – २०००

जन्म हळदिपुर, हॊनावर,
उत्तर कन्नड जिल्हा, कर्नाटक

यौवनावस्थेंतल्यान स्वातंत्र चळवळींतु सक्रीय सहभाग.
महात्मा गांधिजीलॆ साबरमति, वर्धा आश्रमांतु वास्तव्य.

स्वातंत्योत्तर भारतांतु
हिंदि भाशेचॊ अध्यापक आनि
अध्यात्मिक शास्त्राचॊ अभ्यासक, चिंतक आनि समालोचन.

हिंदि भाशेंतु कर्नाटकांतलॆ वचन संप्रदाय आनि
पुरंदरदासालें संत साहित्याचॊ भाशांतर
आनि
संत ज्ञानेश्वरांनी मराठी भाशेंतु निर्माण केलिलें
भगवद् गीता भावार्थ दीपिकाचॊ सखोल अभ्यास, विवेचन
आनि हिंदी भाशेंतु रूपांतर.

*

# भगवद्द गीता संस्मरण

## अनुक्रमणिका


पयलिं दोन उत्रं

प्रस्तावना

| | | |
|---|---|---|
| १. | अर्जुनविशादयोग | १ |
| २. | सांख्ययोग | ७ |
| ३. | कर्मयोग | २२ |
| ४. | ज्ञानकर्मसंन्यासयोग | ३४ |
| ५. | संन्यासयोग | ४९ |
| ६. | ध्यानयोग | ५९ |
| ७. | ज्ञानविज्ञानयोग | ७४ |
| ८. | धारणायोग | ८४ |
| ९. | राजविद्याराजगुह्ययोग | ९६ |
| १०. | विभूतियोग | १०९ |
| ११. | विश्वरूपदर्शनयोग | १२७ |
| १२. | भक्तियोग | १३६ |
| १३. | क्षेत्रक्षेत्रज्ञयोग | १४४ |
| १४. | गुणत्रयविभागयोग | १५६ |
| १५. | पुरुषोत्तमयोग | १६२ |
| १६. | दैवासुरसंपद्विभागयोग | १६८ |
| १७. | श्रद्धात्रयविभागयोग | १८३ |
| १८. | मोक्षसंन्यासयोग | १९० |
| | उपसंहार | २०१ |


******

# *पयलिं दोन उत्रं*

श्री शंकराचार्य विवेक चूडामणींतु स्पश्ट सांगताचि किं जीवांक मनुष्य जन्म प्राप्त जावचो दुर्लभ असता, तांतूत पौरुषत्व प्राप्त जावनुं अध्यात्म साधनुं वेदवित् जावचें अत्यंत कठीण आसता. हें सर्व आसल्यारियी आत्मा अनात्माचें विवेकबुद्धी, सम्यक् अनुभव, ब्रह्मभावनेंतु आस्था, मुक्ति प्राप्त जावचि शतकोटी जन्म–जन्मा नंतर सुद्धां निश्चित ना. परमात्माले साक्षात्कारा खातिर जीवाक मनुष्यत्व, मुमुक्षुत्व आनि महापुरुषांलो सहवास अत्यंत आवश्यक आसता – ''जंतूनां नरजन्म दुर्लभमतः पुंस्त्वं ततो विप्रता । तस्माद्वैदिकधर्ममार्गपरता विद्वत्त्वमस्मात्परम् ॥ आत्मानात्मविवेचनं स्वानुभवो ब्रह्मात्मना संस्थितिर्मुक्तिर्नो शतकोटिजन्मसु कृतैः पुण्यैर्विना लभ्यते ॥ दुर्लभं त्रयमेवैतद्देवानुग्रहम् । मनुष्यत्वं मुमुक्षुत्वं महापुरुषसंश्रयम् ॥''. कालीदास कवीन ''शरीरमाद्यं खलु धर्मसाधनम् ।'' म्हण्णुं सांगल्यार ''धर्मार्थकामतोषणां मूलमुक्तं कलेवरम् ।'' म्हण्णुं शास्त्रांतु व्याख्या केलिलि आसा. आवय–बापय आनि गुरूलें स्थान देवांले स्थाना तितलेंचि महत्वाचें आशिल्यान – ''मातृदेवो भव । पितृदेवो भव । आचार्यदेवो भव ॥'' म्हण्णुं उपनिषद वचन आसा. आवय–बापय आनि गुरु पूज्य आशिल्यान तांगेले जें कर्म आनि विचार श्रेयस्कर आसता तेंचि स्वीकारचाक जाय, अन्य न्हंय – ''यान्यनवद्यानि कर्माणि । तानि सेवितव्यानि नो इतराणि । यान्यस्माकम् सुविचरितानि तानि त्वयोपास्यानि, नो इतराणि ।''.

भारतीयांले मानसांतु प्रत्येक सुसंस्कृत मनुष्यालें आद्य कर्तव्य आनि जवाबदारि आसता किं जन्माक येवनुं मरण प्राप्त जावचे पयलें तीन ऋण पूर्ण करचाक जाय – ''जायमानो वै ब्राह्मणस्त्रिभिऋणान् जायते ब्रह्मचर्येण ऋशीभ्यो यज्ञेन देवेभ्यः प्रजया पितृभ्यः एष वा अनृणो यः पुत्रियज्वा ब्रह्माचारी वासी ॥''. 'ब्रह्मचर्येण ऋशिभ्यो' हें पयलें ऋण ब्रह्मचर्य आनि विद्येचें अध्ययन करनुं ज्ञान–विज्ञानान प्राप्त केलिल्यान परिपूर्ण जाता. 'यज्ञेन देवेभ्यः' हें दुसरें ऋण लोककल्याणा खातिर आपण्याले गुण–स्वभाव आनि धर्माचे यम–नियमांक अनुरूप कर्म यज्ञ–कर्म म्हण्णुं करचें आसता. 'प्रजया पितृभ्यः' हें तिसरें ऋण कुळधर्माचो उत्तरोत्तर अभिवृद्दि खातीर प्रजोत्पादन करचें आसता. मनुस्मृतींतु सांगल्यां किं मोक्ष प्राप्त जावचाक इच्छा करचे प्रत्येक मनुष्याक हे तीन ऋणांचि दखल घेवचि पडता – ''ऋणानि त्रीन्यापकृत्य मनो मोक्षो निवेशयेत् । अनपाकृत्य मोक्षं तु सेवमानो व्रजत्यधः ॥''. उपनिषद वचन आसा किं जेन्नां मनुष्याक प्राण त्याग करचो क्षण येता तेन्नां तो आपण्याले पुताक आपोवनुं तागेल्यांतु ब्रह्मतेज आसा, तागेल्यांतु यजकर्म करचें सामर्थ्य आसा, तागेल्यांतु लोककल्याण करचें दायित्व – जवाबदारी आसा – ''त्वं ब्रह्म, त्वं यज्ञ, त्वं लोकः'' म्हण्णुं कानांतु सांगता. जे पुतान योग्य शिक्षण घेतिलें आसा तो बापयक आश्वासन दिता किं ताणें ब्रह्मतेज प्राप्त केलिलें आसा, ताका यज्ञकर्म करचें सामर्थ्य आसा, लोक कल्याण खातिर दायित्व – जवाबदारी तो स्वीकारता – ''अहं ब्रह्म, अहं यज्ञः, अहं लोक इति''.

मेगेले आवयक पुराणांतले देव देवादिकांले काण्यो आयकुवचि आनि ते चेरडूवांक निदताना सांगचि आवड आशिल्लि. जेन्नां हांवु वाचचाक शिकलो तेन्नां तिगेले संग्रहांतले पुराणांतले काण्यो वाचून माका आनंद मेळतालो. ताका लागून प्रौढावस्थेंतु माका अध्यात्मिक विशयांचि रूच, रस आनि कुतूहल वाडत गेलें. प्रत्येक आवयक आपण्यालो पूत व्होड जावचाक जाय म्हण्णुं दिसता. मेगेलि आवय हाका अपवाद नाशिल्लि. व्होड मनुष्य म्हळयार कितें जावचें तर विवेकानंद, गांधि तशें जावचें. हांवु हासत विचारतालों – विवेकानंदा सारखें संन्यासी जावूं, गांधि तरेन सत्याग्रही जावूं ? तर तीणें सांगिल्ले किं वयान व्होड जाले नंतर मनुष्य कोण जाता हें सांगचें कठीण आसा, पुण तागेलें कर्तुत्व व्होड आसल्यार मनुष्य व्होड म्हण्णुं मान्य करचांतु येता.

मेगेले मनांतु आवयले शब्द घुमघुमत आसताले. उच्च शिक्षण घेत आसताना माका श्री रामकृष्ण आश्रमांतु संन्यासी जावचे सुद्धां आकर्षण आशिल्लें. खार, मुंबयचे आश्रमांतले स्वामींक सुद्धां भेटिल्लो.

पुण ताणीं माका संन्यास घेवचाक योग्य समजलें ना पुण अध्यात्माचो अभ्यास चलत दवरचाक सांगलें. जेन्नां संसारांतु पडलो तेन्नां संसाराचे अनेक तापत्रयान मन अस्थिर जायत आसतालें. मेगेलो अध्यात्माचो अभ्यास निरंतर चलत आसतालो आनि जी माहिती हांवे एकत्रित केलि ती जपून दवरत गेलों. एक क्षण आयलो जेन्नां एकत्रित केलिले माहिती वयर नदर घालताना एकत्रित केलिलि माहिति स्पश्ट समजचाक लागलि. मेगेलि आवय म्हणतालि किं विद्या प्राप्त करचांतु जितलें सुख आनि समाधान आसता ताजे पेक्षा धा पटीन सुख आनि समाधान ती विद्या दुसर्यांक दिवचांतु आसता. तिगेले वेव्हारिक उत्रांचि समज माका गीतेंतलो श्लोक – ''यज्ञार्थात्कर्मणोऽन्यत्र लोकोऽयं कर्मबंधनः । तदर्थं कर्म कौंतेय मुक्तसंगः समाचर ॥'' वाचताना समजलो.

उपनिषदांतु अव्याकृत परमात्माचि स्रिश्टींतु नाम–रूपान व्याकृत जालिलो आसा म्हण्णुं सांगिल्यान गीतेंतु सांगिल्ले ''अविनाशी तु तद्विद्धि येन सर्वमिदं ततम् ।'', ''अंतवंत इमे देहा नित्यसोक्ताः शरीरिणः । अनाशीनओऽप्रमेयस्य .... ॥'', ''न जायते म्रियते वा कदाचिन् नायं भूत्वाऽभविता वा न भूयः । अजो नित्यः शाश्वतोऽयं पुराणो न हन्यते हन्यमाने शरीरे ॥'', ''त्रिगुणस्नयैभावैरेभिः सर्वमिदं जगत् । मोहितं नाभोजानाति मामेभ्यः परमययम् ॥'', ''निमित्तमात्रं भव सव्यसाचिन्'' असले अनेक श्लोकांचो यथार्थ समजलो. परमात्माले तरेन अंश रूपान आशिल्लो मेगेलो 'आत्मा' सर्वज्ञ आसल्यारियी वर्तमान स्थितींतु त्रिगुणांन प्रभावित जालिलो 'हांवु' सर्वज्ञ ना, हें हांवु जाणतालो. देकून जी विद्या 'हांवे' प्राप्त केलिलि आसा किंवा जी विद्या 'हांवु' दितालो ती पूर्ण आसचि ना. तें लक्ष्यांतु दवरनुं हांवे बरयिलि सर्व पुस्तकं एक धंदो म्हण्णुं न्हंय तर एक कर्तव्य म्हण्णुं स्वखर्चान प्रकाशित केलिं. पुस्तकाचें मोल दिल्यार तें घेतलें, दिलें नासल्यार जे विचार मेगेले क्षमतेक लागून निरूपण केलिले आसाचि, तें कोणतरी समजून घेताले म्हण्णुं हांवु समाधान करनुं घेतांलो.

सन् १९८५ वर्सांतु संत पुरंदर दासाले चरित्र बरयले नंतर हांवे कोंकणी भाशेंतु विष्णु सहस्रनामावळीवयर एक विवेचनात्मक पुस्तक बरयलें. तें पुस्तक जन सामान्यांतु मान्य जालें नासल्यारियी जे जनांनि तें पुस्तक वाचलें ताणीं समाधान व्यक्त केलो. श्री संस्थान गोकर्ण पर्तगाळी जीवोत्तम मठाधीश श्रीमद् विद्याधिराज श्रीपाद वडेर स्वामिजींलो अनुग्रह प्राप्त जालिलो.

जें थोडें आयुष्य बाकी परमात्मान दिलिलें आसा तें उरिलें आयुष्यांतु भगवद् गीते वयर उपन्यास बोरोवचि इच्छा जालि. भगवद् गीते वयर अनेक ऋशितुल्य दर्शनकार, भाश्याकारांनि आप–आपण्याले गुण स्वभाव, प्रकृति, प्रसंग, प्रदेश आनि क्षमतेक लागून केलिलें आसा. वास्तवांतु मनुष्याले विचार भूत काळांतल्यान संग्रहित जालिले विचारांचे प्रतिद्वनी रूपान व्यक्त जालिले आसताचि, शिवाय स्वतंत्रतायेन तागेलेचि आसनांचि. देकून जें विचार व्याक्त जालिले आसताचि ते ताणिं पयलें कोणे तरी, खंय तरी, केन्नां तरी व्यक्त केलिलो विचाराचि प्रतिद्वनि दिसून येता.

भगवद् गीतेचो अभ्यास हांवे मेगेले पंचवीसावे वर्सा पासून डा. राधाकृष्णन् हांगेले भगवद् गीते वयरचे पुस्तकान सुरवात केलिलि. ताजे नंतर तिलक, गांधि, अरोबिंदो, रजनीश, अखेरीक श्री मध्वाचार्य, श्री शंकराचार्य आनि विंग–विंगड तत्वज्ञानि, भाश्यकार आनि बुद्धिजीवींले विचार, विश्लेषण, विवेचन समजून घेवचाक प्रयत्न केलो. जें हांवे वाचिल्लें, आयकलिलें तें सर्व विचार एकमेकांतु मिसळून मेगेले मनांतु एक गुंफ्रण जावनुं आशिल्यान खंयचे विचार कोणांले आनि खंयचे मेगेले हें सांगचे माका साध्य ना. देकून 'भगवद् गीता संस्मरण' हे कोंकणि भाशेचे पुस्तकांतु जर वेग–वेगळे विचारवंताले विचार प्रतिबिंबित जालिले दिसल्यार तांतु आश्चर्य जावचें ना.

कोंकणि भाशेंतु हांवे पयलें बरयिलिं पुस्तकं योग्यतेचि आशिल्लिं किं ना हे हांवु जाण नाशिल्लो. देकून हांवे बोरोवचें हे पुस्तक अखेर्चें पुस्तक कदाचित् आसचें शक्य आशिल्यान माका तें पुस्तक जन सामान्यांक आवडचें तसलें, ताणीं वाचचे तसलें, प्रत्येक घरांतु दवरचें तसलें प्राप्त करनुं दिवचें आशिल्लीं. आतां पर्यंत कोंकणि भाशेंतु भगवद् गीतेवयर धा पंदरा भाशांतर, अन्वय आनि भावार्थ दीवनुं पुस्तकं

आसाचि. तांतूत माका आनि एक पुस्तक जोडचें नाशिल्लें. पुण विवेचनात्मक उपन्यास बोरोवचें माका शक्य जातालें कीं ना म्हण्णुं माका विश्वास नाशिल्लो.

हांवे ऐंशि वर्सं पूर्ण करचो समय लागींचि आयिल्लो. देकून भगवद् गीतेवयरचो उपन्यास जे तरेन जनांक मान्य जातालो ते तरेन बोरोवचें निश्चय केलें.

हांवु जाणतालों किं कोंकणि भाशेंतु पुस्तक बरायल्यार इंग्लिष भाशेंतु बरयिले पुस्तका पेक्षा उणें आसतले. भगवद् गीतेंचो अभ्यास करनुं जो लाभ मेळचो आशिल्लो तो माका मेळिलो. इंग्लिष भाशेंतु जाय ते प्रमाणान विवेचनात्मक पुस्तकं उपलब्ध आसाचि, कोंकणी भाशेंतु नांचि. कोंकणि भाशेंतु आसचाक जाय म्हण्णुं हांवे पुस्तक बरयलें. 'भगवद् गीता संस्मरण' हें पुस्तक कोंकणि भाशेंतु बोरोवचें साहस कदाचित् हांवु करनाशिल्लों, जर बोरोवचें ना बोरोवचें हें मेगेले हातांतु आशिल्लें. दीस रात्र एक करनुं भगवद् गीतेवयर एक प्रदीर्घ उपन्यास पूर्ण केलो. पुण तो उपन्यास जनांक मान्य जातालो किं ना म्हण्णुं तांगेलि प्रतिक्रिया जाय आशिल्लि. चूक आसल्यार समजचें आशिल्लें. सुधारचें आसल्यार सुधारचें आशिल्लें. देकून हांवे एक प्रयोग केलो. पुस्तक छापचें पयलें ते पुस्तकाचे २०–२५ देवनागरींतु आनि २०–२५ कन्नड लिपींतु झेरोक्स प्रत्यो तयार करनुं घेतले. परतिक्रिया समजचे खातिर प्रत्यो विनामूल्य स्वखर्चान धाडनुं दिले. जाणून बुजून चूको दाखोवचाक सांगलें ना, सुधार सुचित करचाक आग्रह केलो ना. कारण हांवे वाचिल्लें किं जेन्नां सोमरसेट मोम हे लेखकान तागेले एक पुस्तका बद्दल मत विचारलें तेन्नां कथानक सुधारचे पेक्षा पुस्तकांतु व्याकरणाचे नियम पालन केले ना, देकून भाशा शुद्ध ना म्हण्णुं आरोप करचांतु आयलो खंय !

माका तसले अनुभव आयले नांचि. थोडे जणांनि चूको लक्ष्यांतु हाडले, सुधार सुचयले. थोडे जणांनि कोंकणी भाशेंतु एक व्होड काम केलिले खातिर कौतुक केलें. थोडे जणांनि पुस्तक व्होड आसा ल्हान आसचाक जाय म्हण्णुं सल्ले दिले. थोडे जणांनि कोंकणि भाशेंतलिं पुस्तक वाच्चें कठीण जाता म्हण्णुं सांगलें. थोडे जणांनि तें पुस्तक उघडनुं पान सुद्धा फ़िरय नासताना मेगेलो प्रयत्न व्यर्थ आसा म्हण्णुं सांगलें. थोडे जणांनि चूको दाखयल्यार माका आवडचें ना म्हण्णुं कसलियी प्रतिक्रिया दीत नासताना स्वस्थ बसले. थोडे जणांनि पैशे दीवनुं मदतीचो हात मुखार केलो.

माका प्रतिक्रिया पोळोवनुं आश्चर्य जालें ना. कारण माका केवल पुस्तक बोरोवचें नाशिल्लें. माका जनांलि आस्था जाय आशिल्लि, तांगेलि समज जाय आशिल्लि कारण माका मेगेले विचार सर्वां मुखार व्यक्त करचे आशिल्लें. प्रत्येकांलि प्रतिक्रिया पोळोवनुं मेगेलो निर्धार जास्त सुधृढ जावनुं प्रत्यक्ष अप्रत्यक्ष तांगेलि मदत जालि. माका जें करचें तें करचेंचि आशिल्लें. मेगेले वयर आशिल्ले मोगाक लागून केलिलें कौतुक आनि दिलिलो मदतीचो हात स्वीकारनुं, दाखयिले चूको, दिलिले अभिप्राय घेवनुं, सूचित केलिले सुधार मान्य करनुं पुस्तकांतु आवश्यक ते परिवर्तन करनुं हांवे पयले बरयिलें पुस्तक सुधारलें. हे सर्वांलो हांवु कितलो ऋणि आसा हें माका सांगचाक जावचें ना.

हांवु एक साधारण मनुष्य आसा. माका उत्तुंग पर्वत आयल्यारि चडचें धैर्य ना. खंदक आयल्यारि काळोखाक लागून हांवु भियेतां. हांवु केवल निसर्गाचे वन–वनस्पतींतु शांत निदचें, निरभ्र आकाशंतु स्वैर भमण करचे स्वप्न पोळोंव शकता. कोणिंयी समज न्हंय किं 'भगवद् गीता संस्मरण' भगवंताले गीते वयरचें भाष्य आसा. तें भाष्य न्हंय तर भगवंतालो संदेश परत परत स्मरण करनुं, जे तरेन अथांग सागराचे प्रधीर्घ तटावयर पसरिले असंख्य मोती, रत्न, शंख, पाथर वेंचून ते तरेन एक सुंदर मांटोव तयार करचो हो मेगेलो एक प्रयत्न आसा.

हें पुस्तक जें हांवु कोंकणि जनां मुखार दवरत आसा, तें प्रेमान स्वीकारचे म्हण्णुं प्रार्थना करतां. परमात्मान माका लांब आयुश्य दिल्या, समाधानकारक आरोग्य आनि जीवन जगचाक धन दिल्यां. कोंकणि भाशेंतु एक बरें पुस्तक मेगेले हातांतल्यान कोंकणि वाचकांक प्राप्त करनुं दिलिलो समाधान आसा. जें हांवे आयज पर्यंत आयुष्यांतु जेण् हांवे केलें आनि शेष आयुष्यांतु कें कांय हांवु करतालों तें सर्व परमात्माले अनुग्रहाक लागून आसा हें हांवु जाणता. माका जास्त कांयी मागचें ना, जें हांवु करतां तें जें परमात्मान

दिलिलें आसा ते दिलिल्यान हांवु मेगेलि कृतज्ञता, धन्यवाद आभार प्रदर्शन प्रार्थनेचे रूपान करूं शकता. देकून ते प्रयत्नांतु माका सर्व देव देवतेंलो सहकार आनि सहयोग प्राप्त जावूं हीचि मेगेलि प्रार्थना जावनुं आसा.

पुनंतु मा देवजनाः पुनंतु मा मन धीयः ।
पुनंतु विश्वानि भूतानि जातवेदो पुनीहि मा ॥

– दिव्य देवगण माका प्रसन्न जावूं
मन आनि बुद्धि माका प्रसन्न जावूं
विश्वांतले भूतगण माका प्रसन्न जावूं
सर्व वेद जाणचो अग्निदेव माका प्रसन्न जावूं.

ओं शांतिः शांतिः शांतिः

गुडि पाडवा
४ एप्रिल २०११
मुंबय

नागेश द. सोंदे

०००००० 

## वाचकांले खातिर विशेष सूचना

भगवद् गीता मनुष्याले विचार आनि जीवन परिवर्तन करचें एक धर्म शास्त्र आसा.

भगवद् गीता एक कथा, कादंबरी तरेन वाचचें न्हंय तर एक अध्याय, अध्यायांतले शब्दान शब्दा वयर मनन, चिंतन करनुं, समजून, आत्मसात् करनुं अनुभवचें आसता.

भगवद् गीता मानस सरोवराचे तरेन विशाल, विराट आसून तें पयलें पूर्ण वाचून काडल्यार श्री कृष्णान निरूपण केलिले अव्यय योगाचो व्यापक दर्शन जातालें. नंतर जे तरेन मानस सरोवराचि एक संपूर्ण प्रदक्षिणा करनुं नंतर तांतूतले अमृतमय पवित्र जल खंयचे दिशेन बसून पिल्यारियी जीवन सार्थक जाता ते तरेन भगवद् गीता खंयचे श्लोकान सुरवात केल्यारियी श्री कृष्णान निरूपण केलिले सनातन अव्यय योगाचो अनुभव निश्चित प्राप्त जातालो.

हो मेगेलो अनुभव आसा. तो सर्वांलो अनुभव जातालो म्हण्णुं देवा लागीं प्रार्थना करतां.

नागेश द. सोंदे

# *प्रस्तावना*

छंदोग्य उपनिषद सांगता कीं दर एक मनुष्यालें काळजांतु ब्रह्म निपून आसता जाका प्रयत्न पूर्वक जाणनुं घेवचाक जाय – ''हरिः ओं अथ यदिदमस्मिन् ब्रह्मपुरे दहरं पुंडरीकं वेश्म दहरोस्मिन् अंतराकाशः तस्मिन्यदंतन्वेष्टव्यं तद्वाव विजिज्ञासितव्यं ॥''. जर तें हे जन्मांतूचि केलें नासल्यार अज्ञानाक लागून घोर आपत्ती आनि संकटाक तोंड दिवचें पडतालें – ''इहैव संतोऽथ विद्मस्तद्वयं, न चेदवेदिर्महती विनश्टिः । ये तद्विदुरमृतास्ते भवान्, अथेतरे दुःखमेवापियंति ॥''.

उपनिषादाचे मतान मनुष्यालें सर्व जीवन एक यज्ञ–कर्म जावनुं आसून – ''पुरुषो वाव यज्ञः'' श्री विष्णु साक्षात् यज्ञपुरुष – ''यज्ञो वै विष्णुः ।'' आसा. जर अर्जुन कृष्णालें दैवी प्रभावाक लागून युद्ध एक देवताकार्य ''योगस्थः कुरु कर्मणि संगं त्यक्त्वा ...।'' आनि ''यज्ञार्थात्कर्मणोऽन्यत्र लोकोऽयं कर्मबंधनः ।'' म्हण्णुं मान्य करनुं युद्ध करचाक तयार जाता तर दुर्योधन आपण्यालें अहंकाराक लागून धृतराष्ट्राक सांगता कि तो, कर्ण आनि दुःशासन मेळनुं एक व्होड यज्ञ करत आसाचि. यमधर्मरायाक उद्देशून केलिलें हे यज्ञांतु युधिष्ठिराक पशु रूपान आनि अनेकांक मृत्यु मुखांतु अर्घ्य दिवचांतु येतालें. ताजें विपरीत कर्ण आपण्यालें भविष्य द्रिश्टीक लागून महाभारत युद्ध एक व्होड यज्ञ समारंभ आसा म्हणता, जो दुर्योधनान अनेक क्षत्रियांक एकत्रित करनुं सुरु केलो आनि तागेलें मरणान तो समाप्त जातालो. ते यज्ञांतु कृष्ण साक्षी आनि अध्वर्यु, अर्जुन होता, अभिमन्यु उद्गाता, भीम प्रस्तोता आनि युधिष्टिर यज्ञाचो प्रबंधक आसतालें. युद्धांतु सोडिलें बाण यज्ञ कुंडा भायर पसरायिलें कुश–दर्भ आनि युद्धांतु पडचें रक्त यज्ञांतु हवीरूपान समर्पण जातालें.

कृष्ण यादव कुळांतु मनुष्या तरेन जन्माक आयलो आनि मनुष्या तरेन तागेलो अंत जालो, हाका इतिहास साक्ष आसा. शिवाय कृष्णालें आनि बलरामालें पार्थीव शरीराचो प्रेत संस्कार अर्जुनान केलो म्हण्णुं महाभारत सांगता – ''ततः शरीरे रामस्य वासुदेवस्य चोभयोः । अन्विश्य दाह्यामास पुरुषैराप्तकारिभिः ॥ स तेषां विधिवत् कृत्या प्रेतकार्याणि पांडवः ।''.वेद व्यासांनि इतिहासांतलि घटना जावनुं आशिल्लें पांडव आनि कौरवां मदलें महाभारत युद्ध केवल पारंपारिक संघर्ष म्हण्णुं पळयत नासताना ताका भौतिक पातळीवयल्यान अध्यात्मिक पातळीवयर व्हरनुं, भौतिक आनि अध्यात्मिक विचारंक एक मध्याम करनुं दिलिलें आसा – ''इतिहसामिमं पुण्यं महार्थं वेदसंमितं । व्यासोक्तं श्रूयते येन कृत्वा ब्राह्मणमग्रतः ॥ स नरः सर्वकामांश्च कीर्तिं प्राप्येह शौनक । गच्छेत् परमिकां सिद्धिमत्र मे नास्ति संशयः ॥''.

वेदव्यास धृतराष्ट्राक सांगातचि किं श्री विष्णून भूदेवीक दिलिलें आश्वासनाक लागून देवकीपुत्र कृष्णालें प्राकृतिक रूपांतु आपण्यालि शक्ति सृजन आनि पांडवांक आनि कौरवांक निमित्त करनुं धर्तरे वयर असुरी शक्तींचे प्रभाव समाजांतल्यान नाश करनुं भ्रश्ट, नश्ट जालिलो सनातन अव्यय योग परत दीवनुं देवताकार्य पूर्ण केलें. संसारांतु कृष्णालें हे असामान्य कार्य पोळोवनुं ते काळाचे असित, देवल, व्यासां तसले ज्ञानी जन ताका साक्षात् परब्रह्म परमात्मा म्हण्णुं मानत आसस्ल्यार कंस, जरासंदह, कौरवां तसले अज्ञानी जन तागेलें विशय साशंक आशिल्ले. असलें प्रतिक्रियेन कृष्णाक कसलियी आपत्ति नाशिल्लि किंवा आक्षेप नाशिल्लो कारण तो जाणतालो किं जो पर्यंत मनुष्य इंद्रियांन प्रभावित जावनुं अज्ञान आनि अविचारान वावुरत आसता तो पर्यंत तो मोहांतु वावुरत आसता – ''मोघाशा मोघकर्मणो मोघज्ञाना विचेतसः । राक्षसीमासुरी चैव प्रकृतीं मोहिनीं श्रिताः ॥''.

जेन्नां अर्जुनान कुरुक्षेत्र रणभूमीवयर पदार्पण केलें तेन्नां तो युद्ध करचाक आयिल्लो आशिल्लो, आध्यात्मा वयर प्रवचन किंवा उपदेश अयकुवचाक न्हंय. पुण जेन्नां ताणें रणांगणाचे दोन्निं बाजून युद्ध करचाक तागेलेचि सगे–सोयरे, आप्त–बांधव सुसज्ज जावनुं उभें राबिल्लें पळयलें तेन्नां तागेलें मन मोहाक लागून अस्थिर जालें. आनि तागेलि मनस्थिति अध्यात्माचे ज्ञान–विज्ञान आत्मासात् करचे तसलि

नासल्यारियि कृष्णाक अध्यात्माचे ज्ञान–विज्ञान निरूपण करनुं तागेले मोह आनि विशादांतल्यान भायर काडनुं क्षत्रिया तरेन युद्ध करचाक प्रोत्साहित करचें आशिल्लें.

ताजे खातिर कृष्णाक तागेले सनातन अव्यय परम रूपमैश्वर्याचें दर्शन निःशब्द मौन क्षणांतु घडोवचे पडल्यार तें सुद्धां केलें. किंबहुना जे तरेन स्वर्गांतल्यान वेगान प्रवाहित जालिले गंगेक बंधन साक्षात् महादेवाक घालचें पडलें ते तरेन कृष्णान अर्जुनाक संवाद रूपान निरूपण केलिलो अलौकिक, अत्यद्भुत गीतोपदेश एक शाश्वत, सनातान स्वरूपान ग्रंथित करताना साक्षात् गणेशाक लेखक जावचाक व्यासांक आग्रह करचें पडलें. भगवद् गीते सारखें अलौकिक धर्मशास्त्र लौकिक बुद्धीक लागून निर्माण जायना.

व्यासांनि कुरुक्षेत्राचे रणांगणावयर झुंजचाक आयिले पांडव–कौरवा मदलें पृथिवी–प्रदेश, धन–संपत्ती खातीर जालिलें पारंपारिक युद्ध धर्मयुद्धाचे प्रकाश आनि काळोख, ज्ञान आनि आज्ञान, श्रेय आनि प्रेय, पुण्य आनि पाप, धर्म आनि अधर्मा मदले संघर्षाचे रूपान परिवर्तन केलिल्यान कुरुक्षेत्र धर्मक्षेत्रांतु, भौतिक युद्ध अध्यात्मिक संघर्षांतु परिवर्तन जालें. जर कृष्णार्जुनांलो हो संवाद व्यासांले आनुग्रहाक लागून सक्षम जालिले संजयान एक क्षणांतु श्रवण केलिलो नाशिल्लो आनि व्यासांनि तो ग्रंथित केलिलो नाशिल्लो, व्यासांनि विस्तारान ग्रंथित केलिलो नाशिल्लो तर शतमानान शतमान समस्त संसार दीन, दरिद्र, अभागी, दुर्भागी जायत आशिल्लो. पुण तशें जाल्लें ना.

पुण भगवद् गीता आयकून, वाचून, पठण करनुं वर्तमान जीवनांतु मोक्ष प्राप्त जावचि अपेक्षा करचें असंभव आसता. कारण अध्यात्माचे प्रवासांतु लक्ष्य लागीं आसल्यारियी दूर आसून जन्म जन्मांतरान प्राप्त जावचें तरेन अपेक्षित आसता. देकून युधिष्ठिराले तरेन अखेर पर्यंत मनांतु धर्म–अधर्म, कर्तव्य–अकर्तव्या विशय दुविधा आसता. भिमाले तरेन संसारांतले प्रतिस्पर्धी विशय मनांतलो द्वेश सोंपून सोंपना. द्रौपदिले तरेन मनांतु सूढ बुद्धीन जळचि असमाधानचि कीट जळत आसता. देकून गीतोपदेश अयकून अर्जुनालो स्वभाव आनि वागणूक पूर्ण तरेन बदलचि ना, जो पर्यंत स्थूल शरीरांतु आपण्याले प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाक लागून वागचें ताका अनिवार्य आसता.

संसारांतु मनुष्यालें मन, वाणि आनि कर्म प्रकाश आनि काळोख, ज्ञान आनि अज्ञान, श्रेय आनि प्रेय, पुण्य आनि पाप, धर्म आनि अधर्म असले सकारात्मक आनि नकारात्मक द्रिश्टिकोणांतु बदलत आसता. काळोख पसरिल्यान अर्जुन थोडे समय स्वधर्म आनि स्वकर्मा पासून दूर गेलिलो आसता. गीता आयकून अर्जुनाले मनावयरचो अज्ञानाचो क्षणिक मोह बदलनुं तागेलो आत्मविश्वास आनि स्वतःचे कर्तुत्वा विशय आशिल्लो आत्मगौरव परत ध्यानांतु येता हें स्वाभाविक आसा. कारण जो पर्यंत मनुष्य परमात्मालें अस्तित्व स्रिश्टींतले प्रत्येक वस्तु–पदार्थांतु अनुभवना तो पर्यंत तागेले अंतःकरणांतु श्रद्धा जागी जालिले नाशिल्यान कृष्णाले व्यक्तिमत्व आनि वागणूकींतु द्वंद्व पळयत आसतालो.

पैंगल उपनिषद सांगता किं देवान दिलिलें शरीर जो पर्यंत आसता तो पर्यंत ताका आपण्याले कर्मानुसार जीवनाचो उर्वरित मार्ग चलचो आसता – ''प्रारब्धकर्मपर्यंतं अहिनिर्मोखवद् व्यवहरति चंद्रवच्चरते देही स मुक्तश्चनिकेतनः ॥''. जो पर्यंत परमात्मालो साक्षात्कार जायना तो पर्यंत ताका संसरांतु शौच, प्रार्थना, यज्ञकर्म, क्षेत्रगमन असले धर्म नियम पालन करचें अनिवार्य आसता – ''अनंतकर्म शौचं च जपो यज्ञस् तथैव च । तीर्थयात्रागमनं यावत् तत्वं न विंदति ॥''. परिणामतः मनुष्य आपण्याले अहंकाराक लागून संसाराचे बंधनांतु अडखळत आसता. जेन्नां मन ज्ञान–विज्ञानान प्रकाशित जाता तेन्नां निरहंकार जावनुं द्वंद्व जीवनांतल्यान मुक्त जाता – ''मामेति बध्यते जंतुर् निर्मामेति विमुच्यते । मनसो हि उन्मनीभावे द्वैत्वं नवोपलब्धते ॥''.

देकून एक प्रश्नो परत परत मनांतु उठता – अर्जुनालो केवल द्रिश्टिकोण आनि मन बदललें किं जीवन परिवर्तन जालें ? पुराणांतले अनेक उदाहरणं मेळताचि खंय परमात्माले साक्षात्कार जाले नंतर संसारा दिशेन पोळोवचो मनुष्यालो द्रिशिकोण आनि मन बदलता पुण मनुष्यालो गुण स्वभाव बदलना. तागेले कर्म बदलत नाशिल्यान ताका तागेले प्रारब्ध कर्मानुसार जीवन जगचें पडता. उत्तानपाद राजालो पूत ध्रुवाक

परमात्माले साक्षात्कार जावनुं स्रिश्टींतलें अत्युच्च, नित्य आनि अक्षय स्थानाक अधिकार प्राप्त जाल्यारियी तागेले भाव, उत्तमाक जेन्नां यक्षांनि जीवानशीं मारलो तेन्नां दुःखान आपण्याले क्षत्र गुण–स्वभावाक लागून यक्षां बरोबर वैर साधलें. वशिष्ठ आनि विश्वामित्र साक्षात्कारी ऋषि आसल्यारियी भौतिक जीवनांतु एकमेकां बरोवर वैर भाव धरताले. कृष्ण, गौतम बुद्ध, महावीर, जेसू क्रिस्त असले अनेकानेक प्रतिभावंत साक्षात्कारी पुरुष आप–आपण्याले जीवन जन समाजाचे तत्कालीन यम–नियमांक अनुसरून जगत आसताले.

कृष्णान संसारंतले प्रत्येक मनुष्याक निमंत्रण दिलिलें आसा. निमंत्रण समर्पणान पूर्ण करचें किं ना हें मनुष्यान आपण्याले विवेक बुद्धीक लागून निर्णय घेवचें अपेक्षित आसता. कारण समर्पण पूर्ण जालिल्यान जेन्नां शरीर सोडचो समय येता तेन्नां स्थूल शरिराचि अवश्यकता नाशिल्यान आत्मा शरीराचे बंधनांतल्यान मुक्त जावनुं धन्य आनि कृतकृत्य जाता. अशरीर अवस्थेंतु जे तरेन वायु वातावरणांतलि आपण्यालि स्वाभाविक संचारवृत्ति सोडनुं अशब्द, अस्पर्श, अरूप, अव्यय अवस्थेंतु आसता ते तरेन अशब्द, अस्पर्श, अरूप, अव्यय, रसव्यर्ज, अगंध, अनादि, अनंत, नित्य अमल, स्वस्थ, शांत महत् परब्रह्म स्थितींतु आसता – ''जीवनमुक्त स विज्ञेयः स धन्यः कृतकृत्यवान् जीवनमुक्तपदं त्यक्त्वा स्वदेहे कालसात्कृते विशत्य देहमुक्तत्वं पवनोऽस्पंदिओतामिव । अशब्दं अस्पर्शं अरूपं अव्ययं तथारसं नित्यं अगंधत्वच्च यत् अनादि अनंतं महतः परं धृवं तदेव शिष्यति अमलं निरामयम् ॥''.

परमात्माले द्वार अनि मनुष्याले मदें मनुष्याले भौतिक सुख–संपत्तीचे आकर्षणाचो अहंकार, आज्ञानाचि पडदो आड येता. किंबहुना पयलें भौतिक ज्ञान मेळिले शिवाय अध्यात्मिक विज्ञान समजचे धाडस केल्यार परिणाम भयानक जातालो. देकून जो साधक देवाले दर्शनाखातीर उत्सुक आसता ताका मदलो पडदो दूर करचें पडतालें, बंद आशिल्लें द्वार उघडचें पडतालें. जे जनांक कृष्णाले अनंत सागरांतु प्रवेश करचें आसा तांका सागर कितलो सखोल आनि विराट आसता म्हण्णुं समजचें नासल्यारियी सागर खंयचे दीशेन आसा, सागर कितलो दूर आनि सखोल आनि विशाल आसता तें विशय माहिति, ज्ञान शास्त्रांतल्यान समजून घेवचाक जाय. जशें जशें समजतालें तशें तशें सागराचो अदमास उदकाचो अंदाज पयलें घेवनुं जातालो.

उपनिशद सांगता ''नायमात्मा प्रवचनेन लभ्यो न मेधया न बहुना श्रुतेन । ... नाविरतो दुश्चरितान्नाशांतो नासमाहितः । नाशांतमानसो वापि प्रह्नयनेनैनमाप्नुयात् ॥'' – आत्मज्ञान शिकिल्यान मेळना, बुद्धि कौशल्यान मेळना, जास्त श्रवण केलें तरी मेळना. जे कोणांले चरित्र श्रेय आसना, जो कोण मनान शांत आसना, जे कोणांले मन केंद्रित आसना, जे कोणांले मन स्थिर आसना, तो केवल ज्ञान साधनेन आत्मा प्राप्त करूं शकना. ताजें दर्शन ताकाचि मेळता जाका तो आत्मा वेंचता – ''यमेवैष वृणुते तेन लभ्यस्तस्यैष आत्मा विवृणुते तनू स्वाम् ॥''.

जे तरेन कृष्णाले अस्तित्वाक सुरवात ना अंत ना, ते तरेन तागेले विभूतीचे विस्ताराक आनि वचनांक सुद्धां सुरवात ना अंत ना. जशें जशें उदकाचो स्पर्श जातालो तशें तशें सागरांतु उतरचें, उतरनुं हात पाय मारचें, खोल सागरांतु पोंवचे धाडस करनुं प्रशस्त सागरांतु प्रवेश करनुं परमात्माले परम पद प्राप्त जातालें हें निश्चित आसा. देकून पयलें भगवद् गीतेचें श्रवण करचाक जाय, पठण करचाक जाय, अभ्यास करचाक जाय. ताजे नंतर गीतेचें मनन, चिंतन आनि ध्यान–धारणा केलिल्यान गीतेचो यथार्थ समजतालो. कारण गीतेचो शब्दार्थ समजले तरी गीतेचे शब्दां मदलो भावार्थ उमजून आत्मसात् जावचो ना.

उपनिषदांतु सांगिल्ले तरेन पूषन् देवाक प्रार्थना करनुं दोळ्यावयर इंद्रियांक लागून झगमगचे आकर्षण दूर करचें पडताले जाका लागून परमात्मालें श्रीमुख दिसतालें. – ''हिरण्मयेन पात्रेण सत्यस्यापिहितं मुखम् । तत् त्वं पूषन्नपावृणु सत्य धर्माय दृष्टये । पूषन्नेकर्षे यम सूर्य प्राजापत्य व्यूह रश्मीन् । समूह तेजः यत्ते रूपं कल्याणतमं तत्ते पश्यामि ॥''. तेन्नांचि आंगया तरेन अंतःकरणांतु आशिल्लें ते परमात्माक बासूरीवादकान बासूरींतल्यान स्वर काडिल्ले तरेन भायर काडनुं साक्षात्कार घेवू शकताले.

००००००



## *अध्याय पयलो*
## *अर्जुनविशाद योग*

शास्त्र सांगता किं परमात्माक आदि किंवा अंत ना. परमात्मालें सनातन अव्याकृत अस्तित्वचे व्यतिरिक्त विंगड कसलेयीं ना. जें व्याकृत नामा–रूपान अभिव्यक्त जाता तें परमात्मालें सनातन अव्याकृत अस्तित्व आसून तें व्याकृत नामा–रूपान अभिव्यक्त तेंचि काल समय आयले किं  परमात्मालें ते सनातन अव्याकृत अस्तित्वांतु परत विसर्जन जाता. व्याकृत नामा–रूपान अभिव्यक्त जालिलें सर्व प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाक लागून प्रभावित जाताचि – ''द्वया ह प्राजपत्या: देवाश्चसुराश्च । तत: कनीयसा एव देवा: ज्यायसा असुरा:''. जे प्रकृतिजन्य गुण स्वभाव आनि शास्त्रान प्रभावित जाताचि ते दिव्य प्रवृत्तीचे देव आनि जे संसारांतले विशयवासना आनि अज्ञानाक प्रभावित जाताचि ते असुर प्रवृत्तीचे आसताचि. पुण संसारांतु शास्त्रान प्रभावित जावचे जन कमिं आनि विशय वासनेन आकर्षित जावचे जन जास्त आसताचि.

संसारांतु दर एक मनुष्या मुखार दैवी आनि असुरी शक्ती श्रेय आनि प्रेय हे विकल्प घेवनुं मुखार येताचि. दैवी गुण–स्वभावाक लागून ज्ञानी मनुष्य जें श्रेय आसा तें स्वीकारता तर असूरी गुण–स्वभावाक लागून मंद बुद्धीचो अज्ञानी मनुष्य संसारांतु जें प्रेय आसा तें स्वीकारता – ''श्रेयश्च प्रेयश्च मनुष्यमेतस्तौ संपरीत्य विविनक्ति धीर: । श्रेयो हि धीरोऽभि प्रेयसो वृणीते प्रेयो मंदो योगक्षेमात् वृणीते ॥''. श्री शंकराचार्य हे श्लोकावयर भाष्य करताना म्हणताचि  किं  जे तरेन एक हंस दूध आनी उदाक वेग–वेगळें करता, ते तरेन ज्ञानी मनुष्य विवेक बुद्धीन सारासार विचार करनुं दर एकाचें महत्व समजून घेवनुं तांचे पृथक्करण करता आनि जें श्रेय आसा तेंचि तो आपणयता. मंद बुद्धीचो अज्ञानी मनुष्य विवेक बुद्धी नाशिल्यान इंद्रियासक्त जावनुं स्वत:चे शरीर सुखा खातीर संपत्ती, सत्ता आनी संतान आपणायता – ''अतो हंस इवांभस: पय: तौ श्रेय: प्रेय: पदार्थौ संपरीत्य सम्यक्परिगम्य मनसालोच्य गुरुलाघवं विविनक्ति पृथक्करोति धीरो धीमान् । ...यस्तु मंदोऽल्पबुद्धि: स सदसद्विवेकासमर्ग्यात योगक्षेमाद्योग क्षेमनिमित्तं शरीराद्युपचयरक्षण निमित्येत प्रेय: पशुपुत्रादिलक्षणं वृणीते ॥''.

श्री कृष्णान जी भगवद् गीता अर्जुनाक सांगालि ताजें निरूपण संजयान विषयवासनेन अंध जालिलें धृतराष्ट्रालें – ''धर्मक्षेत्रे कुरुक्षेत्रे समावेता युयुत्सव: । मामका: पांडवाश्च किमकुर्वत संजय ॥'' कुतूहलाक लागून सुरुवात केलि हें महत्वाचें आसा. संसारांतले सर्व प्रश्ने अज्ञान आनि अंत:करणांतले अंध:काराचे कुतूहलाक लागून उद्भवताचि. किंबहुना जेन्नां मनुष्य आपण्याक अध्यात्म ज्ञानाचि जाणीव ना म्हण्णुं मान्य करता तेन्नांचि ताका आपण्यालें अज्ञानाचि जाणीव जाता. पुण जे तरेन अज्ञानाचि भूख अध्यात्माचें ज्ञान–विज्ञानाचो अनुभव सखोल प्राप्त केलिल्यान शांत जाता ते तरेन विषयांन अंध जालिलें मनुष्यान कुतूहलान विचारिलें प्रश्न्यांचि भूख अध्यात्माचें ज्ञान–विज्ञान आयकलिल्यान शांत जावचि संभावना ना.

अज्ञानान अंध आशिल्लें मनुष्याक धृतराष्ट्रा तरेन शरीरान अंध आसचे आवश्यक ना. संसारंतु अनेक जन शरीरान सुधृढ आसल्यारियी मनान आनि भावनेन अंध आसताचि. पुण धृतराष्ट्र शरीरान आनि भावनेन अंध आशिल्लो. धृतराष्ट्रा तरेन तागेलें संतान – दुर्योधन आनि शंभर कौरव, मेधावी म्हण्णु प्रख्यात अशिलें भीष्म,

द्रोण, कृप, कर्ण, आश्वत्थाम आनि संजया तसले सहयोगी सुद्धां शरीरान सुधृढ आसल्यारियी नकारात्मक विचारांन प्रभावित जालिल्यान ते मनान अंध जालिले. देकून तांगेले प्रश्न्याक अध्यात्माचे ज्ञान–विज्ञान शमाधान दिवू शकना.

संजय धृतराष्ट्रालो सारथी जावनुं आसल्यारियी तो बुद्धिमान् आनि ज्ञानी सलाहाकार आशिल्लो. पुण अंध राजा विशय ताका आदर आनि प्रेम आसता. शिवाय तो कौरवांलो आश्रित जावनुं आशिल्यान तांगेले खातिर आपण्याले कौशल्य वापरचें सहज आशिल्ल्गें. देकून युद्धाचे पयलें जेन्नां धृतराष्ट्रालो रायभारि जावनुं तो पांडवांलागीं वचून तांगेलें युद्धाखातिर आशिल्लें मनोबल कमीं करचो प्रयत्न सुद्धां करता. राज्य, सत्ता–संपत्तीचे मोहान करचें युद्ध कुळधर्मा खातिर श्रेयस्कर न्हंय, कुळधर्म रक्षण करचे खातीर संन्यास घेवचें जास्त श्रेयस्कर म्हण्णुं ताणें युधिष्ठिराक उपदेश केलिलो. तरियी पांडवालो दुस्वास तो कर नाशिल्लो आनि कृष्णाले दैवि अस्तित्व तो जाणतालो. शूद्रकुळांतु जन्म घेतल्यारियी अध्यात्म ज्ञान आनि युद्ध करचांतु निपूण आशिल्लो. देकून युद्धाचे वर्णन धृतराष्ट्रा खातीर सविस्तर करचाक व्यासांनि ताकाचि दिव्य द्रिश्टी दिलिलि आसता.

युद्धाचें वर्णन तो विस्तारान करता. संजयाले पयलेचे थोडे उत्रांतु दुर्योधना विशय तागेलो आपुलकीचो सूर दिसून आयल्यारि आश्चर्य ना. दुर्योधनालें कौतुक करत तो धृतराष्ट्राक सांगता – ‘‘दृष्ट्वा तु पांडवानीकं व्यूढं दुर्योधनस्तदा । आचार्यमुपसंगम्य राजा वचनमब्रवीत् ॥’’. नंतर, सैन्याची मांडणी जे तरेन केलिली आसा तें आपण्याले सैन्याचि शक्ती आनि विस्तारा विशय दुर्योधनाक आशिल्लो आत्मविश्वास, ताणें दर्पोक्तीन केलिले पांडवाले शक्तीचे अवहेलना, तागेलि स्फूर्त वाढोवचाक भीष्मान केलिलि शंखध्वनी हें सर्व सविस्तर वर्णन करनुं तो सांगता.

भीष्मान शंखध्वनि केलि. तें योग्यचि आशिल्लें कारण तो कौरवांलो अभिशिक्त सेनापति म्हण्णुं पांडवांक युद्धाक आव्हान ताणेंचि दिवचें योग्यचि आशिल्लें. शिवाय ताका आपण्याले विशय दुर्योधनाले मनांतलो संशय दूर करचो अशिल्लो. ताणें शंख ध्वनि केलिले नंतर दुसरे सर्व अतिरथि–महारथीनिं आप–आपण्याले शंख वाजोवनुं दुर्योधनालो विश्वास वाढयलो. जेन्नां भीष्मान कौरवांलो सेनापति हे नात्यान शंखध्वनि केलि तेन्नां ताका प्रत्युत्तर म्हण्णुं पांडवालो सेनापति म्हण्णुं अभिशिक्त जालिले धृष्टध्युम्नान दिलें ना. धृष्टध्युम्नान केले ना तर युधिष्टिरान तरी स्वत: तें कार्य करयेत आशिल्लें. पुण ताणें तें केले ना, तें बरें जाल्लें. कारण तागेली मनस्तिथी युद्धाविशय उदासीन आशिल्ली. भीम मुखार आयलो ना, तें एक द्रिश्टीन बरेंचि जाल्लें. नासल्यार अफ़ाट राग आनि कौरवां विशय आशिल्ले रोशाक लागून युद्ध सुरु जावचें पयलेंचि संपुश्टांतु येत आशिल्ले. अर्जुन मुखार येवूं शकतलो. पुण म्हालगड्यांक मान दीवनुं तो मुखार आयलो ना, बरें जाले. तागेले मन अनेक विचारानिं, शंका कुशंकानी भांभावनुं गेलिल्यान तोबी योग्य मनस्थितींतु नाशिल्लो.

पुण जेन्नां कृष्णान आपण्यालो पांचजन्य शंख वाजोवनुं प्रत्युत्तर दिलें, तें उचित दीसलें ना. कारण कृष्ण थंय सारथी म्हण्णुं आयिलो, योद्धा म्हण्णुं न्हंय. तरी पुण ताणें शंखध्वनि वाजयल्यार ताका कारण आसा. दुश्टांले निर्दलन आनि संतालें सांत्वन, अधर्माचो नाश आनि धर्माचे प्रस्थापन – हें तागेलें ब्रीद आनि ताजे खातीर ताणें जन्म घेतिलो आसता हें व्यासांनि मागशींचि धृतराष्ट्राक आनि भीष्माक सांगिल्लें. तें वचन धृतराष्ट्रान विसरल्यारियी भिष्मान विसरचें न्हंय म्हण्णुं कृष्णान केलिलो शंखनाद तागेले कार्याचे याद दिवचाक अनि समर्थन करचाक आशिल्लो. कृष्ण स्वत: परमात्मा, केवल एकमात्र कर्ता–करविता आसा आनि संसारंतले सर्व पात्र केवल निमित्त मात्र जावनुं आसताचि हें भीष्म–द्रोणांक याद करनुं दिवचें आसता.

महाभारत युद्ध जें लौकिक द्रिश्टीन दोन परिवारांतले संघर्षाक लागून सुरवात जाल्लें तरियी आध्यात्मचे द्रिश्टीन तें धर्म युद्ध जावनुं आशिल्लें. देकून कृष्णालो शंखनाद भीष्माले शंखध्वनीचो प्रत्युत्तर नाशिल्लो. हें भीष्म जाणतालो. भीष्म बी असामान्य न्हंय. प्रतिभावान् योद्धा कौरवांलो पितामहबी जावनुं आशिल्लो. भीष्मालें व्यक्तिमत्व असामान्य आसून कर्तव्य आनि कुलधर्म संभाळचे संभ्रमंतु पडील्यान भांभावनुं गेलिलो तो जीव

आसता. असले जीवाली कळकळ पोळोवनुं कृष्ण संवेदना दाखयता. जें तो करचो आसा तें ताका करचाक जाय. जें तो करता तें धर्माविरुद्ध आसचें ना. कुरुक्षेत्र हें धर्मक्षेत्र जावनुं आसा. देकून सावधान !

पुण पांडवालि बाजून अर्जुन निश्चिंत आशिल्लो, कारण क्षत्रिय आशिल्ल्यान स्वत:चे शौर्यावयर ताका विश्वास आशिल्लो. युद्ध करचो तागेलो स्वभाव अनि धर्म, युद्ध करचाक तो सर्व तरेन कुशल आनि अधिकारी योद्धा आशिल्लो. तागेलें शिक्षण, संस्कार आनि तन मन संघर्ष करचाक अर्पण जालिलें आसा. संघर्ष तागेले प्रकृतीचो अविभाज्य अंग जावनुं आसा. सर्व जीवन युद्ध करचाक समर्पित जालिलें आसता. युद्ध करचाक ताका विरोध ना. उलट तो युद्धाचो समय आतुरतेन पळयत आसता. जेन्नां युद्ध करचो प्रसंग आयलो तेन्नां तागेलीं दोन्नीं भुजं फ्ुरफ्ुरताले उरत. युद्ध करचाक तयर आशिल्ले नासल्यार तो रणांगणावयर येनाशिल्लो. युद्ध करचाक आयिले योद्धाक शत्रु कोण मित्र कोण हें पोळोवचें आवश्यक आसना. युद्धांतु ताका शत्रु शोधचें पडना, जो मुखार आसता, तोचि शत्रु आसता. तो तयार आसा किं ना पळयना, पोळोवचें आवश्यक दीसना. देकून अभिमानान आनि आत्मविश्वासान तो कृष्णाक आपण्यालो रथ दोन्नीयि सैन्यामद्धें उभे करचाक सांगता ''सेनयोरुभयोर्मध्येरथं स्थापय मेऽच्युत ॥''.

युद्धाचो समय आयिलो आनि आपण्याले मुखार उभें राबिल्लें अफ़ाट सैन्य पोळोवनुं अर्जुन आत्मविश्वासान आनि अभिमानान आपण्यालो धनुष्य उचलता. सामान्य मनुष्याक युद्ध अप्रिय असता कारण थंय हिंसा असता. पुण युद्धांतु हिंसा आसता, हिंसा मृत्यूचो पूर्वरंग असता. सर्व साधारणत: हिंसेचे आजू बाजून मृत्यू आसता. पुण मनुष्यालि प्रतिक्रीया विचित्र आसता. शेजारचो मनुष्य मेलो, वायट जालें. पुण मृत्यून आपण्याले घरांतु येव न्हंय, आप्त–बांधव, मित्र, सगे–सोयरे मर न्हंय. जर ते मेले तर मनुष्य थोडे प्रमाणान स्वत: मरता. देकून जेन्नां अर्जुनान रणभूमीवयर तागेले बरोबर संघर्ष करचाक जमिले सन्मानाक पूज्य जावनुं आशील्ले आप्त–बांधव, मित्र, सगे–सोयरे दुर्योधना खातिर तांगेलो प्राण दिवचाक उभे राबिल्ले पोळोवनुं तागेले तोंडावयर अनपेक्षित दु:खाचे भाव उमटले, तागेलें मन भांभावलें.

अर्जुन स्वभावान मोवाळ, काळजांतु शांति, समत्व आनि समाधान चिंतितालो. शांतिदूत संघर्षाक भीयेना, खंयचेयी प्रसंगाक तोंड दिवूं शकता. तो युद्ध कितें आनि खंयचे कारणांक लागून आसता हें तो जाणता. देकून शांतिदूत सृश्टीकर्ता आसता, सुजनशील आसता, सृश्टीनाशक, विध्वंसक न्हंय. तरियी तो युद्धा पासुन पाठ फ़िरयना कारण शूर क्षत्रियाक जो शांतिदूत आसता ताका तें शोभना. पुण विवेक बुद्दी आसिल्लो मनुष्याक विकल्प आसताचि. तागेले मनांतु विचार करचि शक्ति आशिल्यान तागेले मनांतु द्वंद्व आसता. देकून तो एक मार्ग वेंचता. पुण रणांगणा वयर युद्ध करचाक आयिले अर्जुनाक विकल्प नांचि. कारण युद्धा सुरु जावचे पयले पासून ताका खबर आशिल्ले किं ताका रणांगणावयर तागेले आप्त–मित्र, सगे–सोयर्याले बरोबर युद्ध करचें आसा. तरियी जेन्नां ते सर्वांक मुखार समक्ष उभे राबिल्ले पळयलें तेन्नां तागेले मनावयरचें नियंत्रण सढल जाता. तांगेले वयर आशिल्ले प्रेम, आदर, पूज्य भावनेक लागून तागेले मन मोहग्रस्त जालें. तागेले नस नस शिथिल आनि आत्मविश्वास डगमलो. जनसामान्या तरेन इंद्रियान प्रभावित जावनुं गुण–स्वभावाक लागून प्राप्त जालिलो स्वकर्म विसरलो. गुणांनि आनि स्वभावान क्षात्र वृत्ती आशिल्ले अर्जुनालि मनांतु हे द्वंद्वाक लागून विषाद जागो जालो.

अर्जुन क्षत्रिय जावनुं आशिल्यान मोहग्रस्त जालिले नासल्यार तो प्रतिस्पर्धींक तवशें कापिल्ले तरेन कापून काडताशिलो. मनांतु विचार आयलो, जर ताणें हे सर्वांक मारलें तर कोणां खातीर हें युद्ध जिंकचें, कोणा खातीर जिंकिल्लें राज्य सांभाळचें ? कारण परिवार म्हळयार स्वत:चे अस्तित्वांतु आपण्याले आप्त–बांधवांक समावेश करनुं घेवचें. मनुष्य जीवता, धन–संपत्ती एकत्रित करता, घर बांदता तें स्वत: खातीर कमिं, आपण्याले आप्त–बांधवां खातीर जास्त आसता. आनि जर समस्त पृथिवीचें सार्वभौमत्व संपादन जालें पुण ते सुखाचो अनुभव घेवचाक परिवार नां तर तो विजय आनि तें राज्य कितें कामाचें ?

अर्जुनाली रणंगणवयर बदलिलि ही अस्वाभाविक मनस्थिती वर्णन करताना संजय सांगता, ''तान्समीक्ष्य स कौंतेयः सर्वान् बंधूनवस्थितान् ॥ कृपया परयाविष्टो विषीदन्निदमब्रवीत् ।''. सर्व साधरणतः कृपा, दया आनि करुणा हे समांतर शब्द म्हण्णुं वापरचांतु येताचि. पुण हे तीन शब्दांतु मूळाचो सूक्ष्म भेद, फ़रक आसता. करुणा आनि दया हे कृपा हे शब्दाचे पर्यायी शब्द न्हंय. 'कृपया' म्हळयार करुणा न्हंय, दयावंत जावचें न्हंय. करुणा आनि दया हे भायरचे परिस्थिती, वातावरणाक लागून निर्माण जावचे अनुभव आसताचि, कृपा ही भितर अंतःकरणांतल्यान उत्स्फ़ूर्त जावचो भाव आसता. अंतःकरणांतु करुणा किंवा दया जन्माक आयिल्यान करुणा किंवा दया एक मनुष्य दुसरे मनुष्या खातीर दाखयता, जे तरेन एक धनवान मनुष्य एक दीन, अभागी मनुष्या प्रति दाखयता. रस्त्यावयर पडिले दीन, गरीब भिखारीक पोळोवनुं जी भावना मनांतु उठता ते भावनेक करुणा, दया म्हणताचि, कृपा न्हंय. करुणा आनि दया भाव आशिल्लो मनुष्य सुद्धां दान धर्म करता. जर जगांतु भिखारी नासल्यार मनुष्यांले मनांतु करुणा, दया भावनेक पुण्य कमोवचि संधि मेळचि ना म्हण्णुं दुःख जाता. खंय करुणा, दया आसता थंय आपण्याले पेक्षां दुसरो कमिं भाग्यवान आसा हें जाणवता. ताका लागून तागेले मनांतु किंचित् अहंकाराचो दुर्गंध आसता.

कृपा म्हळयार काळजांतु आसचि, काळीज हालोवनुं सोडचि तळमळ, चैतन्याक अघात करचि संवेदना, उद्विग्नता. कृपा कसलोयी हेतु शिवाय अंतःकरणांतु जागी जाता. कृपा सामान्यतः सहज आमि सरळ गुण स्वभावाक लागून उद्भवता. कृपा सात्विक भाव आसता. कृपा अंतःकरण विस्तारित, व्यापक करता. अर्जुनाक आपण्याले शौर्याचो स्वाभिमान आशिल्यान तो जाणता किं कौरवांले बाजून सर्व पराजित जावनुं तोचि युद्ध जिंकचो असा. कौरव आनि कौरवांलें सैन्य मरताले म्हण्णुं ताका दुःख ना किंवा पश्चात्ताप ना. प्रारब्ध आनि नियतीक लागून मनुष्याक मनान करचें नासल्यारियि करचे पडता म्हण्णुं ते जन मरताले हे कल्पनेन तागेले काळजांतु करुण, दया जागीं जायना. पुण हे युद्धांतु तागेले आप्त–बांधव, सगे–सोयरे केवल दुर्योधनाले अहंकार आनि दुर्बुद्धीक लागून अनायास मरताले म्हण्णुं तागले अंतःकरणांतु कृपा उसळून येता. युद्धापासून परावृत्त जावचाक प्रवृत्त जाता. मन अस्थिर जालिल्यान तो कृष्णाक सांगता – ''यावदेतान्निरीक्षेऽहं योद्ध्कामानवस्थितान् । कैर्मया सह योद्धव्यमस्मिन् रणसमुद्यते ॥''.

संसारांतु मनुष्याक जें दिसता तें इंद्रियां मुखांतर दिसचें शरीर आनि ते शरीराचो आकार आसता. जशें जशें मनुष्य अनेक शरीरां बरोबर संबंध जोडता तशें तशें ते शरीरा बरोबर आवय–बापय, भाव–भयण, कुळ–समाज–राष्ट्र, जाति–धर्माचे रूपान संबध निर्माण करता. ते संबंधांतु परिवर्तन, रूपांतर जायत श्रेय–प्रेय, प्रेम–द्वेश, शुद्ध–अशुद्ध, पाप–पुण्य असले द्वंद्व अनुभवता. संसारांतु जे तरेन मनुष्य शरीराक लागून संबंध जोडता ते तरेन शरीराक लागून संबंध तुटचें पळयता. परिणामतः मनुष्य दुसरे मनुष्याले शरीर नाश जावचे पोळोवनुं ताका मरण आयलें म्हण्णुं मानता. पुण स्वतःचें शरीरा नाश जावचें निश्चित आसा म्हण्णुं मान्य केल्यारियि तें शरीर नाश जालिलें पळयत नाशिल्यान तो स्वतःचें मरण पळयना. अर्जुन हाका अपवाद नाशिल्लो. देकून स्वतःचे शौर्याचो विश्वास आशिल्लो अर्जुन दुर्योधना खातीर युद्ध करचाक आयिल्ले आपण्याले आप्त–बांधव, मित्र आपण्याले हातांतल्यान मरण पावताले म्हण्णुं चिंतित आसता. आप्त–बांधवा वयर आशिल्ले आसक्ती, मोहाक लागून तागेलें मन आनि शरीर दुःखान भणभणता, द्रिश्टी फ़डफ़डता, अंतःकरण धडधडता, हातांतल्यान गांडीव धनुष्य गळनुं पडता म्हण्णुं तो कृष्णाक सांगता – ''सीदंति मम गात्राणि मुखं च परिशुष्यति । वेपथुश्च शरीरे मे रोमहर्षश्च जायते ॥ गांडीवं स्रंसते हस्तान् त्वक् चैव परिदह्यते । न च शक्नोम्यवस्थातुं भ्रमतीव च मे मनः ॥''.

अर्जुन्नालि मनस्थिती जे तरेन आशिल्लि ते तरेन तागेलि प्रतिक्रिया प्रदर्शित जालि. विचार करचे मनुष्याले मनांतु प्रश्ने आनेक उठताचि पुण प्रश्न्यांचे उत्तर मात्र क्वचित् समाधान कारक आसता. थंय युद्ध करचाक अर्जुन सोडल्यार अन्य अनेक योद्धाबी आशिल्ले. तांका कित्याक असलो विचार किंवा विषाद जालो ना? ध्यानांतु दवरचें आवश्यक आसा कीं अर्जुनाक स्वकर्माचो विसर पडिलो आसा. देकून तागेले मनावयर द्वंद्व

सवार जाल्यां. एक मन सांगता, हें युद्ध धर्मयुद्ध आसा, जें क्षत्रियां मुखार स्वर्गाचो दरवाजो सहज उघडनुं अकस्मात् आनि क्वचित् येता. दुसरो विचार सांगता, हें युद्ध जर खेळ्ळें तर आप्त–बान्धव, सगे–सोयरे नाश पाविल्यान युद्धानंतरचें जीव जगचाक असह्य जातालें. असलो विचार दुसरे कोणांकयी आयलो नां. अन्य जन रणांगणावयर सूड भावनेन आयिले, दुर्योधन अधर्माक लागून ग्रहण केलिलें राज्य सांभाळचाक आयिलो, युधिष्ठिर आपण्यालो परंपरागत अधिकार मेळोवचाक आयिलो, भीमाक जीवनभर कश्ट दिलिले सर्व कौरवांक नाश करचें आशिल्लें, भीष्म आपण्याले वयर आशिल्ले कुळ संरक्षण करचि जवाबदारि पूर्ण करचाक आनि द्रोण कौरवां वयर आशिल्लो ऋणाक लागून, कर्ण दुर्योधनालो मित्र आनि अर्जुनालो प्रतिस्पर्धी म्हण्णुं आयिल्लो. तांका विंगड कसलेयी हेतु किंवा कार्य नाशिल्लें.

अर्जुन क्षत्रिय आशिल्लो, कौरवांनि केलिले अन्याया विरुद्ध मनस्ताप ताका जालिलो, पुण रणभूमीवयर युद्ध करचाक आयिले योद्धाक अनपेक्षित असलि बुद्धि आनि वैचारिक प्रवृत्तीक लागून तागेलें मन मोहित जालिलें. अर्जुनान विचार केलो जर ताणें युद्ध केलें तर असंख्य लोक मरताले, तांतूत आपण्याले आप्त–बांधव आनि सगे–सोयरेबी आसताले. प्राकृतिक गुण–स्वभावाक लागून स्वकर्म निर्धारित जालिले क्षत्रियाक युद्ध भूमीवयर युद्धाक पुनर्विचार कर तयार आसचें अपेक्षित आसता. पुण खंय भौतिक मनाक वाव मेळता थंय द्वंद्व विचारांक, दोन द्रिश्टीकोण, दोन मतांक वाट फुटता. द्वंद्व पशूंतु आसना, केवल मनुष्यांतु आसता. देकून द्वंद मनुष्यालो प्रत्यक्षांतु दिसचो स्वभाव संस्कारान धृड जाता. केवल आत्मा संस्कारपासून अलिप्त आनि मनापासून स्वतंत्र आसता.

जेन्नां अर्जुन आपण्याले गुण धर्माक लागून आपण्यालें उत्तरदायित्व स्वीकारचें सोडनुं आपूण स्वतः मेलिलें बरें आप्त–बांधवांक मारचें पाप म्हण्णुं समजता. जेन्नां कौरवांक मारल्यारि कुलक्षय जायत, कुळांतले स्त्री संस्कारापासून भ्रष्ट जाताले, धर्मनश्ट जातालो, पितृ जन तर्पण ना मेळिल्यान नरकांतु पडताले म्हण्णुं स्वभावाचे विपरीत विचार करत मनाचि प्रवृत्ति भ्रश्ट जालिलें सिद्ध करता. अर्जुनाक पश्चात्ताप जाता, कितलें व्होड पाप तागेले हातांतल्यान घडताशिल्लें, जें केलिल्यान आप्त–बांधवांले मृत्युचें दायित्व तागेले वयर पडताशिल्लें म्हण्णुं हळहळता. हे तरेन मनांतु उद्वेग जालिल्यान अर्जुन आपण्यालो धनुष्य बाण सकयल दवरनुं उलयनासताना रथांतु स्तब्ध बसता – ''अहो बत महत्पापं कर्तुं व्यवसिता वयम् । यद्राज्यसुखलोभेन हंतुं स्वजनमुद्यता ॥ ... एवमुक्त्वाऽर्जुनः संख्ये रथोपस्थ उपाविशत् । विसृज्य सशरं चापं शोकसंविग्नमानसः ॥''.

व्यासांनि हे अध्यायाचे नामकरण 'विषाद योग' म्हण्णुं संबोधन करनुं संसारिक तापत्रय अध्यात्मिक पातळीवयर व्हेलें, तें योग्यचि आसा. विशाद वायट असना, कारण विशाद केवल तरल मनाचे, भावूक स्वभावाचे मनुष्याकचि संभवता. विशाद जालिले अर्जुनाक सुद्धां संसारांतु कीर्त कमोवचि आसता. संसारांतु श्रेय प्राप्त करनुं भौतिक आनंद प्राप्त करनुं घेवचो हावेस आसता. ताका विशादांतल्यान भायर पडचाक संधी आनि अवकाश जाय आसता. तागेलो विषाद अध्यात्माचे संस्कारान शुद्ध जावूं शकता. भौतिक भूक अध्यात्म मार्गावयर खावचि दहीबुत्ती जावनुं आसा. संधी आनि अवकाश मेळे किं विषाद योगांतु परिवर्तन जाता. पुण सर्वांलो विषाद योगांतु परिवर्तन जायना. परिवर्तन जावचाक एक विशिश्ट मानसिक पूर्व तयारि आसचाक जाय. विशादेंतु विरहांतलि मिलना खातीर आसचि उत्कंठता आसचाक जाय.

योग मनुष्याले जीवन परिवर्तन करचि कला, जी मनुष्याले अध्यात्म जीवनांतु महत्वाक लागून शास्त्र जालें. भागरांतली अशुद्धी काढनुं भांगर शुद्ध करचांतु येवचि कला. अध्यात्म जीवनांतु विषाद उज्ज्यातेन अशुद्ध जळनुं व्यक्तिमत्व शुद्ध करूं शकता. भौतिक सुख कितलेंयी आल्हादकारक आनि आकर्शक असल्यारियी तें काळजाक सुख शांति प्राप्त करनुं दीना, जितलें अध्यात्मिक सुख आनि शांति परमात्मालें दर्शनान मेळता. जितलो व्होड विशाद असता तितलो व्होड आसता परमात्माले मदतीचि आस्था.

जेन्नां कृष्ण द्वारकेक वच्चे खातिर तयारि करत आसता तेन्नां तो सर्वांक तागेले पासून जें कांय अपेक्षित आसा तें विचारता. दर एक मनुष्य भौतिक सुख समाधान मागता. केवल कुंति मागता सतत विशाद विपत्ति – ''विपदः संतु नः शश्वत्तत्र तत्र जगद्गुरो । भवतो दर्शनं यत्स्यादपुनर्भवदर्शनम ॥'' कारण जेन्नां मनुष्याक विशाद विपत्ति येताचि तेन्नांचि तो परमात्मालो उडगास काडता, अन्यथा ना. सामान्य जानांक मोहांतु घालचो विषाद कुंति तसले उच्च विचाराचे जनांक विपत्ति आयल्यारियी ते मोहांतु पडनांचे. अध्यात्म मार्गावयर विपत्ति आयल्यार ते विषाद करनांचि पुण विपत्ति मशाल तरेन वापरनुं वाट चलताचि. विशाद योग जावूं शकता; कारण योग म्हळ्यार जीवात्माक परमात्मा जोडचि ऐक आकांक्षा, एक प्रयत्न.

००००००



# *अध्याय दुसरो*
# *सांख्य योग*

अर्जुन जन्मान, गुण स्वभावान क्षत्रिय आसून शूर वीर योद्धा म्हण्णुं ताणें तीन लोकांतु ख्याति कमयिलि आसता. तरियी गुण–स्वभावान शांत आनि संवेदनशील आशिल्यान युद्ध करनुं दुर्योधनालि महत्वाकांक्षा पूर्ण करचाक आयिल्ले आप्त–बांधव, सगे–सोयरे–मित्रांक पोळोवनुं तागेलें भावुक मन मोहग्रस्त जाता. भावूक किंवा मोहग्रस्त जालिलो अर्जुन स्वतःचे क्षत्रियाले गुण स्वभावाक अनुरूप विवेक बुद्धि वापरनुं विचार करत नासताना अविवेक विचारांक विवेकाचे रूप दीवनुं स्वतःचे निश्चया वयर  साशंक आसता. क्षत्रिय आसल्यारियी बरें–वायट, श्रेय–प्रेय, पुण्य–पापाचे उत्रं उलयत ज्ञानी मनुष्या तरेन तर्क–वितर्क, वाद–विवादान परीक्षण करचि प्रवृत्ति दर्शायता.

जे प्रश्ने अर्जुनाले मनांतु उठले ते प्रश्ने युधिष्ठिराक, भीमाक, भिष्माक, द्रोणाक, दुर्योधनाक, कर्णाक पडले नांचि कारण ते क्षत्रिय गुण–स्वभावाक लागून संघर्ष करचाक क्षत्रिया तरेन कटिबद्ध आशिल्ले. देकून जेन्नां अर्जुना तसले वीर योद्धालें मन अस्थिर, अस्वस्थ जावनुं युद्धांतलि अनिश्चितता स्वीकारना आनि परिणामान हळहळता तेन्नां तागेलि वागणूक साहजिक अस्वाभाविक आसता.  संभ्रमांतु आशील्ले अर्जुन क्षत्रिय आसल्यारियी ब्रह्मज्ञानी तरेन शास्त्राचि भाशा उलोवचें पोळोवनुं कृष्ण किंचित् अस्वस्थ जावनुं म्हणता – ''कुतस्त्वां कश्मलमिदं विषमे समुपस्थितम् । अनार्यजुष्टम् अस्वर्ग्यम् अकीर्तिकरमर्जुन ॥''. ''कृष्ण बोले मनमें अपने । इसके मनका कौन जाने । मनमें सोचा क्या है इसने । अचरज है ॥ उसने किया भावी अनुमान । हृदयस्थको है सबका ज्ञान । किंतु रहा उस समय मौन । कुछ न बोल ॥'' (ज्ञानेश्वर).

कृष्ण अर्जुनालो मित्र आनि हितचिंतक आसल्यारियी अर्जुनान ताका एक अलौकिक, असमान्य विचारावंत, मानस तज्ञ आनि प्रभावी शिक्षक, गुरु आनि मूर्तिमंत ज्ञान म्हण्णुं मानिलें आसा. सर्व साधारण संभ्रमांतु आशिल्ले मनुष्याले मुखार दोन विकल्प आसताचि. एक विकल्पाक लागून मनुष्य  फ़लाचि अपेक्षा करत नासताना आपण्याले स्वभावाक लागून स्वकर्म करचाक प्रयत्न करता. दुसरो विकल्प मनुष्याक आपण्याले पेक्षां जास्त ज्ञानवान् आशिल्ले गुरूक शरण वचून ताणें दाखयिलो मार्ग स्वीकारचाक प्रवृत्त करता. दुविधेंतु आशिल्लो अर्जुन कृष्णाक गुरु आनि आपूण शिष्य म्हणता. जें श्रेय आसा तें सांगून अनुग्रह करचाक आग्रह करता – ''कार्पण्यदोषोपहतस्वभावः पृच्छामि त्वां धर्मसंमूढचेताः । यच्छ्रेयः स्यान्निश्चतं ब्रूहि तन्मे शिष्यस्तेऽहं शाधि मां त्वां प्रपन्नम् ।''. पुण कृष्णाले उत्तर आयकुवचें पयलेंचि आपूण युद्ध करचो ना म्हण्णुं आपण्यालें निश्चय सांगून धनुष्य बाण सकयल दवरता – ''न योत्स्य इति गोविंदमुक्त्वा तूष्णीं बभूव ह ॥'.

ध्यानांतु दवरका किं परब्रह्म परमात्माले शक्तीन कृष्ण सृजन जावनुं आशिल्यान ताका विस्तरान पसरिलो सागर दीसता, वयर पसरिलो असीम, अनिर्बंध, निर्द्वंद्व आकाश दिसता. देकून कृष्ण जाणता किं जे तरेन सागरांतु निर्माण जावचे तरंग विसर्जन जाले म्हळयार सागर विसर्जन जालो म्हण्णुं समजचें अनुचित आसता ते तरेन आप्त–बांधव, सगे–सोयर्यांले क्षणान् क्षण बदलत, रूपांतरित, परिवर्तन जावचे शरीर, शरीराचो रूप–आकार

नाश जाले म्हळयार तांगेलो शरीराचो भितर बदलत, रूपांतरित, परिवर्तन, विसर्जन जाय नासताना भूत काळांतु आशिल्लो आनि भविष्य काळांतु आसचो निराकार आत्मा नाश जाता म्हण्णुं समजचें अनुचित आसता.

अर्जुनाले मनावयर अज्ञानाक लागून मोहाचें पांघरूण पसरिल्यान आप्त–बांधव, सगे–सोयर्यांले शरीर, शरीराचो रूप–आकार नाश जाले म्हळयार तांगेलो आत्मा नाश जाता म्हण्णुं समजून विशाद करत आसा. अर्जुनाले मनावयर मोहा पसरिलान तो सज्ञानी ना. असले जनांक मुंडक उपनिषदांतु – ''अविद्यायामंतरे वर्तमानाः स्वयं धीराः पंडितं मन्यमानाः । जंघन्यमानाः परियंति मूढा अंधेनैव नीयमाना यथांधाः ॥'' म्हण्णुं वर्णन केलिलें आसा. अज्ञानी आनि ज्ञानी मनुष्यांतु फ़रक इतलोचि आसता किं अज्ञानी मनुष्य आपण्यान अभ्यासान एकत्रित केलिलि पुस्तकी माहिती ज्ञान म्हण्णुं समजून अत्यंत कुशलतेन तें आपण्याक जाय ते तरेन निश्कर्ष काडनुं वापरता. शास्त्रांतु सांगिल्लें सत्य अनुभवले शिवाय शास्त्रांचो संदर्भ, उदाहरण दीवनुं आपण्याले वैयक्तिक विचार प्रगट आनि प्रस्थापित करचाक चालाखी आनि साहस दाखयता.

देकून महायुद्धाचे रणांगणावयर दोन्नी बाजून सैन्य सुसज्ज उभें आसताना त्रिलोकांतु शूर वीर म्हण्णु ख्याति प्राप्त जालिले अर्जुनालि मनस्थिति, व्यथा, मोह पोळोवनुं कृष्ण 'प्रहसन्नमिव', उपहासान न्हंय तर जे तरेन ना समजचो चेरडान बुदवंता तरेन उलोवचें पोळोवनुं आवय हासता ते तरेन, हासता. चेरडाक अनुभव नाशिल्यान तो अज्ञानी आसता. आवयक अनुभव आशिल्यान ती ज्ञानी आसता. ज्ञानि मनुष्य शास्त्रांतु सांगिल्लो विशय पयलें आयकून, समजून, चिंतन, मनन आनि निदिध्यासन करनुं अनुभवांतल्यान आपण्याले वागणूकींतु परिवर्तन हाडता.

किंबहुना कृष्ण कसलेंयि नवें सांगना. जे तरेन मनुष्य प्रकृतीचे नियमांक लागून श्वास भितर घेता आनि उच्छवास भायर सोडता ते तरेन काळाचे निश्चित संकल्पनेक लागून परब्रह्म परमात्मालें अव्याकृत अस्तित्व रूप–आकारान व्याकृत जालिले आकारंतु अंशरूपान प्रस्थापित जावनुं काळांतरान समय आयलो किं व्याकृत जालिले रूप–आकार आनि प्रस्थापैत जालिलो परमात्मालो अंश परत अव्याकृत अस्तित्वांतु सहज, सरळ विसर्जन जाताचि, ते विशय – ''आत्मैवेदमग्र आसीत्पुरुषविधः, सोऽनुवीक्ष्य नान्यदात्मनोऽपश्यत्, सोऽह्मस्मीत्यग्रे व्यवहरत् ।'' म्हण्णुं उद्गार काडिले ते तरेन कृष्ण सुद्धां अध्यात्मिक पातळीवयर ते सनातन, अविनाशी, शाश्वत, अदृश्य आनि अज्ञात आत्माचो अनुभव प्राप्त करनुं घेतिल्यान आत्माचे जन्म–मरणाचें भयान त्रस्त ना. काआरण तो जाणता किं अव्याकृत बिंब अवस्थेंतु आनि प्रतिबिंब रूपान व्याकृत जावनुं बदलत, रूपांतरित, परिवर्तन जायत आसचे रूप–आकारांतु कसलोयी मूळ फ़रक आसना. भौतिक पातळीवयर अर्जुनाक केवल रूप–आकार दृश्य, ज्ञात आसून आत्मा अदृश्य आनि अज्ञात आशिल्यान अर्जुन विनाशी, अशाश्वत दृश्य, ज्ञात आशिल्लो रूप–आकारांचो जन्म–मरणाचें भयान उलयता.

कृष्ण एक असामान्य गुरु आसा, जो सर्व अन्य जन निदेंतु आशिल्लो तेन्नां स्वतः जागो आसता. कृष्णालेंचि शब्दांतु सांगचे आसल्यार जेन्नां सर्व सामान्य जन अज्ञानाचे अंधःकारांतु वावुरताचि तेन्नां संयम दवरिलो मनुष्य ज्ञानाचो प्रकाश अनुभवता. जेन्नां सामान्य जन भायर स्रिश्टींतलो स्थूल प्रकाश अनुभवताचि, तेन्नां मनन करचे ऋशि–मुनि अंतरंगांतु आत्माचो सूक्ष्म प्रकाश अनुभवताचि – 'या निशा सर्व भूतानां तस्यां जागर्ति संयमी । यस्यां जाग्रति भूतानि सा निशा पश्यतो मुनेः ॥'. आंधःकार आशिल्लो थंय प्रकाश निश्चयान अपेक्षित आसता; अज्ञान आशिल्लो थंय ज्ञान अपेक्षित आसता. मरण पाविल्याक जन्म अपेक्षित आसता. देकून कृष्णाक अर्जुनाले मनांतु इंद्रियांचे प्रभावाक लागून आशिल्लें अज्ञानचे पांघरूण दूर करनुं ताका ज्ञान–विज्ञानाक लागून प्रकाश पसरावचें आसता. आप्त–बांधव, सगे–सोयर्यांले स्थूल शरीरांतु आशिल्लो सूक्ष्म, नित्य, अविनाशी, सनातन, अक्षर आत्माचे दिशेन ध्यान निदर्शना करचें आशिल्लें.

कृष्ण अर्जुनाक पयलें भौतिक संसारांतले आप्त–बांधव, सगे–सोयरे मरताले म्हण्णुं जे विशय चिंता करत ज्ञानी मनुष्याले तरेन उलोवचें पोळोवनुं ताका जें निश्चित घडचेंचि आसा ते विशय विचार करचें व्यर्थ

आसता – “अशोच्यानन्वशोचस्त्वं प्रज्ञावादांश्च भाषसे ।” म्हण्णुं फ़टकारायता. आनि नंतर जें जावचें आसता ते विशय ज्ञानि जन मनुष्याले जन्म–मरणाचे विशय चिंता करनांचि म्हण्णुं सांगता – “गतासूनगतासुंश्च नानुशोचंति पंडिता: ॥”. संत ज्ञानेश्वर म्हणताचि – “उस निश्चित हेतुसे । हरीने कहा क्रोधसे । माताके क्रोधमें जैसे । रहता स्नेह ॥ .. वैसे ऊपरसे कठोर । अंदर वो जो अति मधुर । ऐसे वाक्य शार्गधर । बोला पार्थसे ॥ अनादि सिद्ध है यह पूर्ण । होना जाना स्वभाव कारण । सोचनेका तुझे क्या कारण । है इसमें ॥ अज्ञानवश कुछ न जानता । जो सोचना वह नहीं सोचता । फ़िर भी बडी नीति है कहता । हमको ही ॥” (ज्ञानेश्वर).

कृष्ण सांगता किं स्रिश्टीचे नियमांक लागून जन्माक आयिले प्रत्येक रूप–आकाराक क्षीण, निर्जीव आनि नाश जावचें साहजीक आसता, तो रूप–आकार कृष्णालो आसूं, अर्जुनालो आसूं किंवा रणांगणा वयर जमिले राजे, अतिरथि महारथि वा सामान्य सैनिकांलो आसूं. ते सर्वांले स्थूल रूप–आकारांक मृत्यूचे मुखांतु पडचें निश्चित आसता. तेचि तरेन आत्माक मृत्यूक पडीले प्रत्येक रूप–आकारांचे बदलाक एक नवें रूप–आकार परत प्राप्त जावचें हें सुद्धां निश्चित सत्य आसताम् कारण “न त्वेवाहं जातु नासं न त्वं नेमे जनाधिप: । न चैव न भविष्याम: सर्वे वयमत: परम् ॥”.

देकून जें भूत काळांतु नाशिल्ले आनि आतां वर्तमान काळांतु आसचे किंवा आतां आशिल्लें पुण भविष्य काळांतु आसचे ना आशें खंयचोंयी आत्मा आसचो ना. अर्जुनाले आप्त–बांधव, सगे–सोयरे भूत काळांतु आशिल्ले आनि तेचि तरेन भविष्य काळांतु सुद्धां आसताले. शरीराचि रूप–आकार जन्माक आयिले नंतर जे तरेन शरीराक बालपण, यौवन आनि म्हांतारपण येता ते तरेन तें शरीर थोडे थोडे प्रमाणान क्षणान क्षण क्षीण जायत, बदलत, रूपांतरित, परिवर्तन जायत आसता – “देहिनोऽस्मन् यथा देहे कौमारं यौवनं जरा । तथा देहांतरप्राप्तिर्धीरस्तत्र न मुह्यते ॥”. देकून ज्ञानी मनुष्य ताका लागून दु:ख भोगना.

कृष्ण समजायता किं शरीराक पांच ज्ञानेंद्रियं, पांच कर्मेंद्रियां, मन, बुद्धि आनि अहं भावनेक लागून थंडि–हुनसाण, सुख–दु:खाचे अनुभव येताचि वताचि, ते अनुभव मनुष्यांक सहन करचाक जाय – “मात्रास्पर्शास्तु कौंतेय शीतोष्णसुखदु:खदा: । आगमायिनोऽनित्यास्तांस्तितिक्षस्व भारत ॥”. मनुष्याले एकमेकां मदलो संबंध शरीर जन्माक आयिल्यान सुरवात जाता आनि भौतिक पातळीवयले पूर्व काळांतल्यान संग्रहित जालिलो विचार, संस्कारांक लागून शरीराक ‘हांवु’ हें अहंकाराचि रूप प्राप्त जात. वास्तव्यांतु संसारा शरीराक लागून आवय–बापय, भाव–भयण, थंड–हून, सुख–दु:ख, श्रेय–प्रेय, शुद्ध–अशुद्ध, पाप–पुण्य, जाति–धर्म, कुळ–समाज–राष्ट्र असले संबंध निर्माण जाताचि. ताजे नंतर शरीर बदलत, रूपांतर, परिवर्तन, क्षीण जायत नाश जाले किं संसारांतलो संबंध सोंपता. देकून संसारांतल्यान मुक्त जावचें आसल्यार पयलें भौतिक पातळीवयले पूर्व काळांतल्यान जालिलो विचार, संस्कारांचो संग्रहरूपान निर्माण जालिलो ‘हांवु’ विसर्जन करचें आवश्यक आसता.

ताजे विपरीत शरीरांतु अदृश्य आशिल्लो आत्मा अविनाशी, शाश्वत, सनातन आशिल्यान ताका जन्म ना किंवा तो बदल, रूपांतर, परिवर्तन, क्षीण, नाश जायना. जर संसारांतल्यान मुक्त जावचें आसल्यार पयलें भौतिक पातळीवयले पूर्व काळांतल्यान जालिलो विचार, आचार, संस्कारान विचलित जाय नासताना, सुख–दु:खांतु समसमान आसल्यार तो मोक्ष प्राप्त करता – “यं हि न व्यथयंते पुरुषं पुषर्षभ । समदु:खसुखं धीरं सोऽमृतत्वाय कल्पते ॥”.

परमात्मान निर्माण केलिलि स्रिश्टि आनि समाजाचे अनुशासन, व्यवस्थे खातीर धर्माचे यम–नियम, रीत–रिवाज घालनुं दिलिले आसताचि. देकून जो ज्ञानी मनुष्य हें जाणता तो जें अस्तित्वांतु ना तें अस्तित्वांतु येवचें संभव ना किंवा जें सनातन नित्य निरंत अस्तित्वांतु आसता तें केन्नांयिं अस्तित्वांतल्यान विसर्जन जावचें संभव ना – ‘नासतो विद्यते भावो नाभावो विद्यते सत: । उभयोरपि दृश्टोऽंतस्त्वनयोस्तत्वदर्शिन: ॥” म्हण्णु स्वीकारनुं धर्माचे यम–नियमानुसर जीवन जगता.

भीष्म, द्रोणा तसलो जन ज्ञानी आशिल्यान जें अस्तित्वांतु आसता किंवा अस्तित्वांतु ना, अस्तित्वांतु घडत किंवा अस्तित्वांतु घडना म्हण्णुं चिंता, दुःख करनांचि, कारण ते जाणताचि किं जें अस्तित्वांतु आसता किंवा अस्तित्वांतु ना, अस्तित्वांतु घडत किंवा अस्तित्वांतु घडना तें परमात्मालो धर्माचो यम–नियमानुसर वर्तमान काळांतलो शरीर नाश जाल्यारियी नवें शरीर निश्चितरूपान प्राप्त जावनुं अनुभवचाक संधि प्राप्त जातालि. जो तरेन मंदिराचो जीर्णोद्धार मंदिराचो वास्तु बदलिल्यान किंवा रूपांतरित केलिल्यान जायना तर मंदिरांतु भितर देवालो विग्रह बदलिल्यान जाता ते तरेन मनुष्यालो उद्धार शरीराचो आकार बदलनुं, रूपांतर किंवा परिवर्तन करनुं जायना तर शरीरांतलें चिअतन्यरूपी आत्मा बदलिल्यान, रूपांतर, परिवर्तन जालिल्यान जाता. शरीर मात्र बदललें म्हण्णुं शरीरांतु अंशरूपान आशिल्लो आत्मा बदलनुं, रूपांतर, परिवर्तन, सृजन जायना तर केवक शरीरांतलो बदल, रूपांतर, परिवर्तन मनांतु विशाद उत्पन्न जावचाक अवकाश प्राप्त करनुं दिता.

वास्ताविक शरीर नाश जाल्यारियी परब्रह्मालो अंश रूपान शरीर व्यापून असचो आत्मा केन्नांयी नाश जायत नासताना शाश्वत आसता, तें कोणिंयी नाश करू शकनांचि – ''अविनाशी तु तद्विद्धी येन सर्वमिदं ततम् । विनाशमन्ययस्यास्य न कश्चित्कर्तुमर्हसि ॥ अंतवंत इमे देहा नित्यस्योक्ताः शरीरिणः । अनाशीनोऽप्रमेयस्य तस्माध्युध्यस्व भारत ॥''. देकून अर्जुनान चिंता करत नासताना, संभ्रामांतु पडत नासताना आपण्याले गुण स्वभावाक अनुसरून संघर्ष करचाक जाय. जेन्नां कृष्ण अर्जुनाक युद्ध, संघर्ष करचाक आग्रह करता, तेन्ना समज न्हंय किं तो हिंसक, क्रूर, अनैतिक किंवा अधार्मिक आसा. कृष्ण हिंसा–अहिंसा, नीति–अनीति, धर्म–अधर्माचे पेलतडेन नित्य, निरंतर निराकार प्रथमावस्थेचो परब्रह्म तत्व आसा. कृष्णाक संसारांतलें जीवन जितलें स्वप्नवत् आसता तितलेंचि मरण स्वप्नवत् आसता, कारण हांगा कोणियी मारनांचि, कोणियी मरनांचि.

छंदोग्य उपनिषदांतु सांगल्या किं सत्याचि कामना योग्य आनि उचित आसता, पुण जें ते सत्य अस्तित्वाक आवरण घालनुं आसता तें अयोग्य, अनुचित, असत्य आसता. देकून संसारांतले जनांक सत्य जाणचाक येना – ''त इमे सत्याः कामा अनृतापिधानास्तेषां सत्यानां अतामनृतमपिध्हनं यो यो ह्यस्येतः प्रैति न तमिह दर्शनाय लभते ॥''. पुण जे संसारांतु आसून संसारा पासून अलिप्त आसताचि तांका सत्य–असत्य, नित्य–अनित्याचो ज्ञान आशिल्ल्यान आपण्याले भितर अंतःकरणांतु पूर्ण आनि निर्मल अस्तित्वाचें सत्याचें दर्शन जाता – ''अथ चास्येह जीवा ये च प्रेता यच्चान्यदिच्छन्न लभते सर्वं तदत्र गत्वा विंदतेऽत्रह्यस्मैते सत्याः कामाअनृतापिधा ... ।''. मरणाचो गुण–धर्म शरीराचो आसता शरीराचे भितर आशिल्लो आत्माचो न्हंय. जर कोणिंयी समजताचि किं आत्मा मारता किंवा आत्मा मरता तर ते सत्य जाणनांचि. कारण युद्धांतु किंवा खंयचेयी प्रसंगांतु कोणिंयी कोणांकयी मारनांचि किंवा कोणिंयी मरनांचि – ''य एनं वेत्ति हंतारं यचैनं मन्यते हतम् । उभौ तौ न विजानितो नायं हंति न हन्यते ॥''.

अव्याकृत परमात्मा नाम–रूपान पांच स्थूल तत्व पांच सूक्ष्म इंद्रियं, मन, बुद्धि, अहंकार, हे प्राकृतीक तत्वाक लागून अनेक रूप–आकारान व्याकृत जावनुं निश्चित काळ समय अस्तित्वांतु आसून, काळांतरान दर क्षण, क्षणान् क्षण बदलत, रूपांतरित, परिवर्तन, प्रकृतीचे नियमांक लागूण जीर्ण आनि क्षीण जायत, थोडे थोडे प्रमाणान दृश्य आशिल्लें अदृश्य जायत, अदृश्य आशिल्ले दृश्य जायत, कालचक्रा तरेन नित्य, निरंतर, सतत फ़िरत परत अव्याकृत अस्तित्वांतु विलीन जाता, पुण केन्नांयी नाश जायना – ''न जायते म्रियते वा कदाचित् नायं भूत्वाऽभविता वा न भूयः । अजो नित्यः शाश्वतोऽयं पुराणो न हन्यते हन्यमाने शरीरे ॥''.

जें काल आशिल्लें ते आयज आसना; जें आयज आसा तें फ़ाल्या आसचें ना. किंबहुना जे तरेन जन्म अटल आसता तेचि तरेन मरण अटल आशिल्यान मृत्यूचे मुखांतु केन्नां तरी, खंय तरी पडचें हें निश्चित आसा. आत्माक जन्म किंवा मरण नासल्यारियी ते सूक्ष्म आत्माचि ओळख तें स्थूल रूप–आकारचे शरीर माध्यम करनुं पळयिल्यानचि मेळता. जेन्नां मनुष्य आत्मा अव्यक्त, नित्य, निरंतर, निराकार, सर्वव्यापी, स्थिर आनि सनातन

आसता म्हण्णुं जाणता तेन्नां ताका कोण मारू शकता किंवा कोणंले कडचान तो मारचांतु येता – ''वेदाविनाशिनं नित्यं य एनमजव्ययम् । कथं स पुरुषः पार्थ कं घातयति हंति कम् ॥''.

तरियी साधारण मनुष्य बदलत, रूपांतरित, परिवर्तन जायत अंताक क्षीण, जीर्ण जावनुं मृत्यूचे मुखांतु पडचें शरीर पोळोवनुं भयान चिंतित आसता. कृष्ण समजायता किं युद्धांतु आप्त–बांधव, सगे–सोयर्यांले शरीर नाश जालिल्यान ते नाश जाताले म्हण्णुं दुःख करचे न्हंय कारण जें निर्माण जाता तें निश्चित बदलत, रूपांतर, परिवर्तन जायत नाश जायत आसता. ही प्रक्रिया केवल रूप–आकारांक लागून आसता शिवाय रूप–आकारांतु अविनाशी, नित्य, निरंतर आशिल्लें आत्माक न्हंय. देकून अर्जुनान हें सत्य लक्ष्यांतु घेवनुं संभ्रमांतु पडत नासताना निश्चिंत जावनुं संघर्षाक तयार जावचाक जाय.

किंबाहुना जेन्नां मनुष्य वत–पावूस पडचें, सूर्य–चंद्र उगवचें पळयता तेन्नां तो साधारणतः समजता किं वर्तमान काळांतु माध्यम म्हण्णुं ताका जें शरीर प्राप्त जालिलें आसा तें शरीर नाश जाल्यार तो भविष्य काळांतु पडचो वत–पावूस किंवा उगवचो सूर्य–चंद्र परत केन्नांयी पोळोवचो ना. कृष्ण सांगता किं ताका वर्तमान काळांतु माध्यम म्हण्णुं प्राप्त जालिलें शरीर नाश जाल्यारियी भविष्य काळांतु ताका परत नवें शरीर माध्यम म्हण्णुं निश्चित प्राप्त जातालें आनि तो परत नवे माध्यमांतल्यान वत–पावूस पडचें आनि सूर्य–चंद्र उगवचें पळयतालो हांतूत तिळभर सुद्धां संशय आसचो ना. कारण जे तरेन सागरा वयर वायूचे शक्तीक लागून तरंग उठताचि आनि पडताचि ते तरेन प्रकृतीचे नियमांक लागून निर्माण जालिले शरीरांतु आत्मान आगमन केलिल्यान तें शरीर सजीव जाता आनि शरीरांतल्यान आत्माअन निर्गमन केलिल्यान तें शरीर निर्जीव जाता म्हण्णुं लौकिक पातळीवयर समजचांतु येता – ''वासांसि जीर्णानि यथा विहाय नवानि गृह्णानि नरोऽपराणि तथा शरीराणि विहाय जीर्णान्यन्यानि संयाति नवानि देही ॥''.

जर अर्जुन तें जाणतालो तर तो आपण्याले आप्त–बांधव, सगे–सोयरे मरण पावले तर तें अनपेक्षित आसता म्हण्णुं दुःखी जावचो ना तर एक ज्ञानी मनुष्या तरेन विचारताशिल्लो किं जर शरीर नाश जालें नंतर कितें आसतालें ? हो प्रश्नो विचारल्यार मनुष्याक स्वतःचे अज्ञानाचें जाणीव जावनुं जाणिवेचें परिवर्तन ज्ञानांतु जावनुं दर एक इच्छा, उत्सुकता विकासाचे प्रक्रियेंतलें पयलें पावूल निश्चित जातालें.

सूक्ष्म रूपान आसचे नाम–तत्वाक शस्त्रान दुखोवचें साध्य ना, उज्ज्यान जळोवचें शक्य ना, उदकान भिजोवचाक जायना किंवा वार्यान सूखोवचाक जायना – ''नैनं छिंदंति शस्त्राणी नैनं दहति पावकाः । न चैनं क्लेदयंत्यापो न शोचयति मारुतः ॥ अच्छेद्योऽयमदाह्योऽयक्लेद्योऽशोष्य एव च । नित्यः सर्वगतः स्थाणुरचल्फ्ऽयं सनातनः ॥''. आत्मा नित्य, सर्वव्यापी, तटस्थ, अचल आनि सनातन आसता. तो अव्यक्त, विकारशून्य आसा म्हण्णुं जाणनुं मनुष्यान चिंतित आसचें न्हंय – ''अव्यक्तोऽयमचिंत्योऽयमविकार्योऽयमुच्यते । तस्मादेवं विवित्वैनं नानुशोचतुमर्हसि ॥''. शिवाय जर मनुष्य नित्य जन्माक येता नित्य मरता म्हण्णुं मानल्यारियी अर्जुनान चिंता करचि अवश्यकता ना म्हण्णुं कृष्ण सांगता. कारण प्रत्येक जीवाक स्थूल शरीर माध्यम म्हण्णुं प्राप्त जालिलें आसून वर्तमान शरीर नाश जाले नंतर प्रारब्ध कर्म भोगचाक एक वेगळें, नवें शरीर प्रकृतीचे नियमांक लागून निश्चित प्राप्त जातालें – ''जातस्य हि धृवो मृत्युर्धृवं जन्म मृतस्य च । तस्माद्परिहार्येऽर्थे न त्वं शोचितुमर्हसि ॥''.

कठ उपनिषदांतु नचिकेत हें सनातन सत्य – ''बहूनामेमि प्रथमो बहुनामेमि मध्यमः । किंस्विद्यमस्यस् कर्तव्यं यन्मयाद्यकरिष्यति ॥अनुपश्य यया पूर्वे प्रतिपश्य तथ्हऽपऐइ । सस्यमिव मर्त्यः पच्यते सस्यमिवाजायते पुनः ॥ वैश्वानरः प्रविशति अतिथिर्ब्राह्मणो गृहान्ऽऽ । ...'' म्हण्णुं जाणतालो. देकून जेन्नां तागेले बापयन ताका मृत्यूक दान म्हण्णुं दिलें तेनां तागेलें मन विचलित जालिलें ना. प्रकृतीचे नियमांक लागून घडचे घटना घडत आसताचि ते तरेन रूप–आकारांतु आसताना जीं कर्मफ़ल घडताचि तीं पूर्णतरेन निश्क्रीय जाय पर्यंत नाम–तत्वाचो संबंध रूप–आकारं बरोबर आसता. हे तरेन आसचे अवस्थेकचि संसार म्हणताचि. देकून रूप–आकारांक बदलचें,

रूपांतरित, परिवर्तन जावनुं मृत्यूचे मुखांतु पडनुं द्रिश्टीचे भायर नाश जालिले तरेन अदृश्य जावचें आनि परत रूप–आकार परत निर्माण जावनुं शेष कर्मफ़ल भोगचे खातिर नामतत्वान थंय स्थापित जावचें आवश्यक आसता.

अर्जुन हे काल चक्रांतु घडचे मरणाक लागून चिंतित आसा पुण जो काळातीत आसून भूत कांळांतु आशिल्लो, वर्तमान काळांतु आसचो आनि भविष्य काळांतुबी नित्य निरंतर आसचे आत्मा विशय तो विचार सुद्धां करना. कारण अर्जुनाले अध्यात्मिक व्यक्तिमत्व अभिव्यक्त जालिले ना पुण अभिव्यक्त जावूं शकता. जे तरेन एक बियेंतु झाड अभिव्यक्त जावचें सत्व आसता, जे तरेन अभिव्यक्त जालिलें झाडांतु अनभिव्यक्त बींय निपून आसता ते तरेन अर्जुनाले अध्यात्मिक अस्तित्व अभिव्यक्त आनि अनभिव्यक्त समसमान जावनुं आसताचि. देकून जें कालचक्राक लागून निश्चित आसा ते विशय चिंता, व्यथा कसल्याक करची म्हण्णुं कृष्ण विचारता – ''अव्यक्तादीनि भूतानि व्यक्तमध्यानि भारत । अव्यक्तनिधनान्येव तत्र का परिवेदना ॥''.

जें युद्ध अर्जुनाक झूंजचाक कृष्ण आग्रह करता तें भौतिक पातळी वयलें कुरुक्षेत्र रणांगणा वयर कौरवां बरोबर करचे युद्ध न्हंय तर कालचक्राक लागून मानसिक पातळीवयर अज्ञान नाश करचो संघर्ष आसता. जेन्नां शरीर क्षीण, जीर्ण जावनुं नाश जाता तेन्नां जे तरेन ते जीवात्माक आपण्याले कर्माचे फ़ल भोगचाक नवें शरीर प्राप्त करनुं दीवचांतु येता. स्रिश्टींतलि ही प्रक्रिया पोळोवनुं एक मनुष्य आश्चर्यान पळयता, दुसरो एक आश्चर्यान उलयता, तिसरोचि एक आश्चर्यान आयकता. तरियी ते काळचक्राचें गूढ तत्व कोणिंयी जाणनांचि – ''आश्चर्यवत्पश्यति कश्चिदेनमाश्चार्यद्वदति तथैव चान्य: । आश्चरयवच्चैनमन्य: शृणोति श्रुत्वाऽप्येनं वेद न चैव किंचित् ॥''. जें क्षर आसा तें मनुष्य आपण्याले प्राकृतिक दोळ्यांनि पोळोवूं शकता देकून तेंचि सत्य आसा म्हण्णुं मानता. जें अक्षर आसा, जें मनुष्य आपण्याले प्राकृतिक दोळ्यांनि पोळोवूं शकना आनि जें पोळोवचाक विशिश्ट द्रिश्टी आसचाक जाय, ताजे विशय मनुष्य शंका, संदेह करता. जे मनुष्याक सागर अनुभवचो आसता ताका अपण्यालि द्रिश्टी तरंगावयर केंद्रित करनुं पळयिल्यान तें साध्य जायना. देकून अर्जुनाना शरीरा नाश जालिल्यान आत्मा नाश जाता म्हण्णूं दु:ख करचें न्हंय – ''देही नित्यमवध्योऽयं देहे सर्वस्य भारत । तस्मात्सर्वाणि भूतानि न त्वं शोचितुमर्हसि ॥''.

सामान्य मनुष्य शरीराचे रूप, आकार पोळोवनुं प्रभावित जावनुं शरीराचे बरोबर संलग्न आसता. जें मनुष्य पळयता तें तागेले प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाक अनुरूप आनि
जें कर्म करता तें परमात्मान घालनु दिलिले यम नियमांक अनुसरून याज्ञ–कर्म म्हण्णुं करचें अपेक्षित आसता. ते तरेन कर्म केल्यार कोणांकयी कामना करचि पडना, याचना करचि पडना आनि वेगळें कांयियी करचें आवश्यक ना. गुण आनि स्वभावाक लागून कर्म यज्ञकर्म म्हण्णुं सहज करता तेन्नां प्रकृति नियमांक लागून जें घडचें आसा तें घडत असता. जें सर्व कांय घडता जे तरे्न आनि जशें कांय घडता तें पयले पासून निर्धारित आसून प्रत्येक घटाकाचे गुण स्वभावाक लागून भितर आशिल्लि परमात्मालि स्रुजन शक्ति जें करचें आसा तें करनुं घेता.

ब्रह्मणांनि कर्चचें कर्म अध्ययन, अध्यापन, यज्~!ज, याजन, दान आनि प्रतिग्रह आसता. क्षत्रियांलो गुण स्वभाव लोककल्याणा खातिर आपण्यालो शौर्य, सामर्थ्य वापरनुं वेदविद्येचें अध्ययन–अध्यापन करचें ब्राह्मणांलें, द्रव्य, धन धान्य संपादन, संग्रह, वितरण करचे वैश्यांले, लोकसंग्रह खातिर सेवाभाव दवरचे शूद्रांले भय निवारण आनि संरक्षण करचें हेंचि तांगेलें यज्ञकर्म जावनुं आसता.

सूर्य पूर्व दिशेन उदयाक येता, उदेता, सूर्य पश्चिम दिशेन अस्त जाता, वारो व्हांवता, पावूस पडता, बींय अंकुर पावनुं सस्य जाता, सस्य फ़ूलता फ़लता, फ़ुलाचो सुगंध पसरायत फ़लाचो स्वाद स्रिश्टींतले प्रत्येक घटकांक आप–आपण्याले गुण स्वभावाक लागून करनुं अभिवृद्ध, विकसित करता. क्षात्र वृत्तीचे अर्जुनान ब्राह्मणालि भाशा उलोवचें म्हंय. असलि वागणूक अप्राकृतीक आनि असंमजस आसा म्हण्णुं कृष्ण पयलें

अर्जुनाक भौतिक पातळीवयर तागेलो क्षत्र धर्म ध्यानांतु हाडनुं ताणें प्रकृति जन्य गुण स्वभाव आनि आपण्यालें स्व–धर्मप्राप्त स्वकर्म करचाक जाय – ‘‘स्वधर्ममपि चावेक्ष्य न विकंपितुमर्हसि । धर्म्याद्धि युद्धाच्छेयोन्यत् क्षत्रियस्य न विद्यते ॥’’ म्हण्णुं सांगता.

जेन्नां मनुष्य आपण्यालें गुण स्वभावाक अनुरूप कर्म यज्ञ–कर्म म्हण्णुं करता तेन्नां याचना केल्यार ती प्रार्थनेंतु, कृतज्ञतेंतु, धन्यवाद, आभार प्रदर्शित करचांतु परिवर्तन जाता. प्रार्थना म्हळयार समर्पण, जें आसा तें सर्वस्वी तूंचि आनि तुगेलेंचि आसा. अन्य कोणिंयी नाशिल्यान थंय ‘हांवु’ ‘मेगेलें’ आशें कांयि आसचें ना, ऊरचें ना, उर ना. देकून करचें कर्म कसलेयी इच्छा, कामना, आसक्ती पूर्ण करचे खातीर न्हंय किंवा देवालागिं याचना करचे खातिर न्हंय तर तागेले वयर परमात्मान दिलिलें दायित्व म्हण्णु कर्म यज्ञकर्म म्हण्णुं करनुं फ़ल परमात्माक शरण वचून समर्पण करचें आसता.

कृष्ण अर्जुनाक क्षत्र गुण स्वभावाक लागून आशिल्लो स्वाभाविक अभिमान जाणतालो. देकून जेन्नां कृष्ण पळयता किं जें तो अध्यात्मिक पातळीवयर निरूपण करता तें अर्जुन अजून भौतिअक पातळीवयर घुटमळत आशिल्ल्यान समजना तेन्नां ताका भौतिक पातळीअवयर ताणें प्राप्त केलिले यश, कीर्ति ध्यानांतु घेवनुं सांगता किं जातीन जो क्षत्र गुण स्वभावाचो असता तो असलि संधि हातांतल्यान निसटून वच्चाक दिवचो ना, कारण यज्ञकर्म म्हण्णुं केलिलें असलें धर्मयुद्ध स्वर्गाचे द्वार ऊघडता – – ‘‘यस्दृच्छया चोपपन्नं स्वर्गद्वारमपावृतम् । सुखिनः क्षत्रियाः पार्थ लभंते युद्धमीदृशम् ॥.

जर ताणें हो सनातान मार्ग स्वीकारलो ना तर ताका जगांतु अपकीर्ति आनि अपमान सोसचो पडतालो म्हण्णुं निःसंकोचान सांगता – ‘‘अथ चेत्वमिमं धर्म्यं संग्रामं न करिष्यसि । ततः स्वधर्मं कीर्तिं च हित्वा पापमवाप्यसि ॥ अकीर्तिं चापि भूतानि कथयिष्यंति तेऽव्ययाम् । संभावितस्य चाकीर्तिर्मरणादतिरिच्यते ॥’’. शिवाय लोक म्हणताले किं ताणें प्रतिस्पर्धींक भीवनुं रणांगणा वयल्यान पलायन केलें. जन तागेले विशय अपशब्द उलोवनुं निंदा करताले. हाज्जे पेक्षा जास्त दुःखाचि खबर दुसरि कसलि आसतालि? पुण कर्तव्य कर्म करत जर मरण आयल्यार तो परलोकाचे स्वर्ग सुख आनि जिंकल्यार इहलोकाचे अभिवृद्धी प्राप्त करतालो, देकून ताणें निश्चय करनुं युद्ध करचाक सिद्ध जावका – ‘‘हतो वा प्राप्यसि स्वर्गं जित्वा वा भोक्ष्यसे महीम् । तस्मादुत्तिष्ठ कौंतेय युद्धाय कृतनिश्चयः ॥’’.

हेंचि आसता अध्यात्माचे दुर्गम प्रवासांतलें पयलें पावूल आनि भौतिक ज्ञान अध्यात्मिक विज्ञानांतु परिवर्तन जावचें पयलें सूत्र. अध्यात्मिक ज्ञानाचि सफ़लता ही साधकालि अंतिम लक्ष्य समाधानांतु परिवर्तन करतालि. अध्यात्माचे पातळीवयर प्रश्ने आसनाचि, केवल तांचे निरसन, समाधान आसता. अंतिम लक्ष्य प्राप्त जालिल्यान जीवन समस्या जावनुं उरचें ना. आनि तेंचि करचो प्रयत्न कृष्ण करत आसा. सामान्य द्रिश्टीक दिसचे उदाहरण दीत तो जें ज्ञानी जनांनि शस्त्रांतु जें सांगल्या तें आत्मासत् करचाक अर्जुनाक प्रोत्साहन दिता.

स्वतःचे आत्मा प्रति आशील्ले अज्ञान नाश करचाक आशिल्लें मुमुक्षत्व सांख्य मार्गा वयरचें पयलें पावूल जावनुं आसून अंताक ज्ञानोदय जावनुं संसारांत्ले तागेले सर्व बंधन तुटून पडताचि. देकून जेन्नां कृष्ण ‘तस्माध्युध्यस्व भारत ॥’ म्हण्णुं अर्जुनाक सांगता तेन्नां तो अर्जुनाक कुरुक्षेत्राचे रणांगणावयर केवल भौतिक पातळीवयर युद्ध करचाक प्रवृत्त करना तर वर्तमान जीवनांतु सांख्य योग आत्मासात् करनुं निर्माण जालिलो मोह अनि विशाद पूर्ण तरेन नाश करचाक सांगता. जेन्नां मनुष्यालि विवेक बुद्धि विषयासक्तीन कलुशित जाता, तेन्नां ताणें संसार पोळोवचो द्रिश्टीकोण सुद्धां भ्रश्ट जाता. असले सामयारि मनुष्याक सुख–दुःखान प्रभावित जाय नासताना आपण्यांले मन निर्विशय करनुं लाभ–हानी, यश–अपयश अर्जुनान संसार संग्रामांतु संघर्ष करचाक जाय – ‘‘सुखदुःखे समे कृत्वा लाभालाभौ जयाजयाऊ । ततो युज्यस्व नैवं पापामवाप्स्यसि ॥’’.

परमात्मा प्राप्त जावचाक अनंत मार्ग आसाचि, देकून एकचि मार्ग मनुष्याक परमात्मालें परम पदाक व्हरता म्हण्णुं मानचें योग्य न्हंय. जें दिसता तें समजले शिवाय जें दीसना तें समजचे कठीण आसता. इंद्रियान

प्रभावित जालिलें भौतिक ज्ञान स्थिर जालें शिवाय इंद्रियांचे पेलतडेनचें अध्यात्मिक ज्ञान–विज्ञान समजचाक गेल्यार सर्व प्रयत्न विफ़ल जातालें. देकून अर्जुनाक जें दिसता तें समजून जें दिसना तें समजावनुं घेवचाक कृष्ण अर्जुनाक प्रयत्न करचाक सांगत आसा. कृष्णालें द्रिश्टीन जें युद्ध अर्जुनाक करचें आसा तें तें युद्ध तागेले गुण स्वभावाका लागून भौतिक पातळीवयर मात्र न्हंय तर अध्यात्मिक पातळीवयर अज्ञान समूळ उमटून काडनुं थंय ज्ञान–विज्ञनाचें आनि ते अनुशंगान परमात्मालें प्रभुत्व प्रस्थापित करचें खातिर आसता.

देकून पयलें पासून परमात्मान 'अव्यय योग' तीक्ष्ण आनि तरल बुद्धीचे ज्ञानी जनांक ज्ञानयोगाचें मुखांतर आनि कर्म करचें जनांक समजचाक उचित आनि पर्याप्त जावनु आशिल्लों कर्मयोगांचें मुखांतर प्राप्त करनुं दिलिलों आसता. कृष्ण साक्षात् परमात्मा विष्णूलें तरेन व्यापक द्रिश्टीकोण आनि व्यक्तिमत्वाचों आशिल्यान अर्जुनालें व्यक्तिमत्व पयलें भौतिक पातळिवयले कर्म योगाचें ज्ञान दीवनुं आतां पेलतडेनचें सांख्य योगाचें विज्ञान निरूपण करत आसा, जाका लागून अर्जुन कर्माचें बंधनांतल्यान मुक्त जातालों – "एषा तेऽभिहितासांख्ये बुद्धिर्योगे त्विमा शृणु ।बुद्ध्या युक्तो यया पार्थ कर्मबंधं प्रहास्यसि ॥". चूक मार्गावयल्यान ध्यान परतावनुं योग्य मार्गावयर केंद्रित करचें हें अध्यात्म साधनेंतले पयलें पावूल आसता. तें पावूल ल्हानांतु ल्हान आसल्यारियी निश्चित लाभदायक जावनुं साधकाक व्होड संकटांतल्यान मुक्त करू शकता. हे तरेन प्रयत्न केलिल्यान तागेलों खंयचोयी प्रयत्न व्यर्थ वचना, खंयचोयि मार्ग अपयश जावचों ना – "नेहाभिक्रमनाशोस्ति प्रत्यवायो न विद्यते । स्वलमस्य धर्मस्य त्रायते महतो भयात् ॥".

वेदसंहिता ऋशीमुनींले श्रौत साक्षात्काराचें व्याख्या करत आसल्यार स्मृति, धर्मशास्त्र ते साक्षात्काराचें विश्लेषण आनि विवेचन करनुं सामान्य जनांलें साधनेक गति दिता. परमात्मालो साक्षार प्राप्त जावचें खातिर साधकांक वेग–वेगळे मार्ग आशिल्यान तांगेले मन संभ्रमांतु पडचें शक्य आशिल्यान कृष्ण ते जनांलें विशय चिंतित आसा – "व्यवसायात्मिका बुद्धिरेकेह कुरुनंदन । बहुशाखा ह्यनंतश्च बुद्धयोऽव्यवसायिनाम् ॥". कारण ज्ञानी म्हण्णुं स्वत: समज करनुं घेवचे जन सत्व–रज–तम गुणांचे प्रभावाक लागून वेद ऋचांचों गूढार्थाचों समज विपरीत अर्थ दीवनुं स्वर्ग सुख आनी भोगैश्वर्याचें खातिर यज्ञ कर्म करचाक प्रतिपादन करताचि. ते जनांक 'वेदवादरता:' म्हण्णुं संबोधन करनुं कृष्ण तांगेलों विरोध, तिरस्कार आनि रोष नि:संकोच दाखयता – "भोगैश्वर्यप्रसक्तानां तथाऽपहृतचेतसाम् । व्यवसायात्मिका बुद्धि: समाधौ न विधीयते ॥'. कृष्ण वेदाचि निंदा करना, वेदशास्त्रा विशय ताका विरोध ना पुण वेद संहिता ऋषींलें अंतर्मनांतले ज्ञानाचें स्रोत आनि संकलन जावनुं आशिल्लें ज्ञान विज्ञानाचों विकृत अर्थ करनुं मंत्रांतु आशिल्लि शक्ति मनुष्यान भौतिक सुखाखातिर वापरचि वृत्ति विशय तागेलों निश्चित विरोध आशिल्लों.

श्री मध्वाचार्य वेदांतलें गूढ रहस्याचें निर्विवाद स्पश्टीकरण दीत सांगताचि किं वेदांतले शब्दांक भौतिक, अधिभौतिक आनि अध्यात्मिक हे तीन स्तरा वयले अर्थ आसताचि, महाभारतांतलें शब्दांक धा स्तरा वयले अर्थ आनि विष्णुसहस्रनामांक सहस्र स्तरा वयले अर्थ आसताचि. देकून वेदांतले गुह्य रहस्य जाणचे ऋशींक क्रांतदर्शी म्हणताचि. पोंडिचेरीचें श्री आरविंद घोषांलें मतान वेदांतलें ज्ञान–विज्ञानाचें गूढ रहस्य अनधिकारि सामान्य मनुष्यालें हातांतु घातक आसू शकता म्हण्णुं ऋषिमुनींनि हेतुपुरस्पर आनि निश्चित धारणेन ते ग्रंथित करताना लौकिक पातळीवयले सामान्य शब्द उदाहरण, संकेत म्हण्णुं वापरलें. तरियी वेदांतलें रहस्य गूढचि उरलें. किंबहुना वेदांतु गूढार्थ आसा – "ऋचों अक्षरे परमे व्योमन् यस्मिन्न देवा अधि विश्वे निषेदु: । यस्तन्न वेद किं ऋचा अरिष्यि यैत् तद् विदुस् त इमे समासते ॥", "चत्वारि वाक् परिमिता पदानि तानि विदुर् ब्राह्मणा ये मनीषिण: । गुहा त्रीणि निहिता नेंगयंति तुरीयं वाचो मनुष्या वदंति ॥" म्हण्णुं वेदांतले ऋशिंनि निष्ठून परत परत सांगिल्लें आसा. तरियी स्वार्थाक लागून वेदांतलें उच्चकोटीवयले गूढ रहस्य विषयासक्त इंद्रियांचे सुखा खातिर वापरचें कृष्णाक मान्य नाशिल्लें.

वेदांतलें गूढ रहस्य केवल तप, त्याग, दान, भूतदया, ब्रह्मचर्य, सत्य, धैर्य, क्षमा आनि श्रद्धेन अधिकार प्राप्त केलिले जनांकाचि मात्र सरल उपलब्ध आसता, अन्य जनांक न्हंय म्हण्णुं मत्स्य पुराणांतु सांगल्या – "अद्रोहश्चाप्यलोभश्च दमो भूतदया तपः । ब्रह्मचर्य ततः सत्यमनुक्रोशः क्षमा धृतिः । सनातनस्य धर्मस्य कूलमेतद् दुरासदम् ॥". मनु म्हणता वेदांतले श्रुति आनि स्मृति ज्ञान, धर्मशास्त्रांतले यम–नियम, साधुसंतानि घालनुं दिलिले आचार–विचार धर्माचे उद्दिष्ट म्हण्णुं मानचांतु आयल्यां – "वेदोऽखिलो धर्ममूलं स्मृतिशीले च तद्विदाम् । आचारमैव साध्नामात्मनस्तुष्टिरेव च ॥". याज्ञवल्क्य स्मृतींतु म्हळया किं वेदा, स्मृति, सदाचार, मनाचें समाधान अनि सद्बुद्धीन केलिलें कार्य हेंचि धर्माचे मूलाधार जावनुं आसा – "श्रुतिः स्मृतिः सदाचारः स्वस्यच प्रियमात्मनः । सम्यक् संकल्पः कामो धर्ममूलमिदं स्मृतम् ॥'.

श्री रामदास स्वामी समर्थ दासबोधांतु म्हणताचि – "प्रगट तें जाणावें असार । आणि गुप्त तें जाणावे सार । गुरुमुखें हा विचार । उमजों लागे ॥ जे उमजेना ते उमजावे । जे दिसेना ते पाहावे । जे कळेना ते जाणावे । विवेकबळे ॥ ... शब्दाकरितां कळे अर्थ । अर्थ पाहतां शब्द व्यर्त । शब्द सांगे तें यथार्थ । परि आपणा मिथ्याअ ॥ .. भूसांकरिता धान्य निपजे । धान्य घेऊन भूंस टाकिजे । तैसे शब्द भूंस जाणिजे । अर्थ धान्य ॥ .. शब्द बोलोनि राहे । अर्थ शब्दापूर्वीच आहे । या कारणें न साहे । उपमा तया अर्थासि ॥".

द्वापर युगांतु वेदऋचांचो मूळ अर्थ भ्रश्ट, नश्ट जालिल्यान श्री विष्णूलोचि पूर्णावतार जावनुं आयिल्लो देवकी पुत्र कृष्णान पुरातन काळांतलो सनातन 'अव्यय योग' परत प्रस्थापित केलो तर विष्णुलोचि अंश रूपान प्रभावित जालिलो द्वैपायन कृष्णान छिन्न विछिन्न पसरिले वेद ऋचांक एक सुसंगत स्वरूप दिवनुं ऋग्, यजुर्, साम आनि आथर्व हे चार ग्रंथांतु विभाजन केलें. जाका लागून सनातन अव्यय योग शुद्ध स्वरूपांतु सामान्य संसाराक उपलब्ध जालो. देकून वेदांचे महत्व कृष्णाले हातांतु कमीं जालें किंवा तो वेदांतले यज्ञसंस्थेचि विरोधक आशिल्लो म्हणचांतु येना. देकून वेद ऋचांचो शब्दार्थ समजून न्हंय तर अंतर्मुख जावनुं वेद ऋचांचे गूढार्थाचो अध्ययन करनुं आत्मसात् करचें आवश्यक आसता. कारण वेद त्रिगुणांचे पेलतडेनचें ज्ञान–विज्ञान जावनुं आसा – "त्रैगुण्यविषया वेदा निस्त्रिगुण्यो भवार्जुन । निर्द्वंद्वो नित्यसत्वस्थो निर्योगक्षेम आत्मावान् ॥". अकर्शण करचे वस्तु सोडचो प्रयत्न करयेत, अकर्शण जावचे मनावयर नियंत्रण दवरयेत, पुण साधना करनुं आकर्शण–विकर्षणाचे द्वंदाचे पेलतडेन वचून आसक्ति मनांतल्यान समूळ नश्ट करचें कठीण आसता, अशक्य न्हंय. देकूण मन शुद्ध, सात्विक आनि संवेदनशील केले शिवाय वेदांतलो गूढार्थ समजचो ना.

जेन्नां कृष्ण 'निर्द्वंदो नित्यसत्वस्थो निर्योगक्षेम आत्मवान्' हे शब्दांवयर वजन घालता तेन्नां दोन विकल्पांतलो एक विकल्प स्वीकार म्हण्णुं सांगना, तर निष्काम जावनुं विशयांनि प्रभावित जाय नासताना स्वतःचे आत्मावयर मन केंद्रित करनुं स्वस्थ आसचाक सांगता. स्वस्थ म्हळयार 'स्व'तु निर्विशय, निर्विचार एकांतांतु आसचें. एकांत म्हळयार आपण्याले विभक्त जालिले 'स्व' अहंकाराचो अंत अनि अविभक्त, अनंत परमात्मांतु संलग्न जावचें आसता.

सर्व साधारण मनुष्य जें उपलब्ध जाल्यां तें मेळिल्यान देवालि कृतज्ञता आनि आभार प्रदर्शन करचाक देवळाक वचना तर जें उपलब्ध ना तें मागचे, मेळोवचे खातिर वचत आसता. मनुष्यालें मन संसारांतले सुख–दुःख, बरें–वायट, श्रेय–प्रेय, पाप–पुण्य, पदार्थ–परमार्थ, संसार–मोक्ष, एक पसंद करचें आनि दुसरें सोडचें – हे तरेचे द्वंद्व अस्तित्वाक लागून भ्रमिष्ठ जालिलें आसता. पुण एक सोडले आनि दुसरे धरलें म्हण्णुं साधनेंतु कसलो फ़रक पडता ? तो द्वंद्वांतूचि आसता. ब्रह्मज्ञानान परिपूर्ण आशिल्ले ऋशी वेदांतलो विशाल आनि सखोल ज्ञान–विज्ञानाचे सागराचो लाभ घेत नासताना वेदाचे शब्द जालांतु आडकून उदाक सर्वत्र पसरिले आसल्यारियी तहान समाधान करचाक सरोवराचे दिशेन धांवत आसचे तरेन जातालें – "यावानर्थ उदपाने सर्वतः संप्लुतोदके । तावान् सर्वेषु वेदेषु ब्राह्मणस्य विजानतः ॥".

सामान्यतः संसारांतले सर्व जन–जनांवरांतु आहार, निद्रा, भय आनि मैथुन हे भाव समसमान उत्स्फूर्त जायत आसताचि, केवल मनुष्याक मात्र परमात्मान सारासार विचार करचि धार्मिक विवेक बुद्धि दिलिलि आसा –''आहारनिद्राभयमैथुनश्च सामान्यमेतद् पशुभिः नराणाम् । धर्मोऽहि तेषां विशेषः धर्मेण हीनाः पशुभिः समानाः ॥''. पुण मनुष्य स्रिश्टींतु आपूण निर्माण जालिलो सर्व जीव जनांवरांतु उच्चस्थाना वयर आसता म्हण्णुं समजून आपण्यालो कल्पना शक्ति आनि विवेक बुद्धीक लागून स्रिश्टींतले सर्व वस्तु–पदार्थ आनि स्वतःचे इंद्रियांचो सदुपयोग परमार्थ साधचाक करत नासताना अहंकाराक लागून स्वार्थाचे खातिर निर्माण केलिलो आसाचि असले भ्रमान ऋतु नियमांचे विपरीत तांगेलो दुरुपयोग करता. समजचाक जाय किं स्रिश्टि निर्माण जालो नंतर जीव–जंतु–पशु–पक्षि–जनांवरंतु प्रकृतिजन्य गुण स्वभाव आनि यम–नियमांक लागून बदल, रूपांतर आनि परिवर्तन जायत तांका कोटि कोटि जन्म–जन्मांतरान मनुष्य जन्म प्राप्त जाता. देकून आतां परमात्मा कडचान प्राप्त जालिलो मनुष्य जन्म जीव–जंतु–पशु–पक्षि–जनांवरां तरेन इंद्रियांचे पातळीवयर भौतिक विषयांचो भोग आनि प्रजोत्पादन करचाक सीमित दवरत नासनाना संवेदनशील अंतरमन अध्यात्मिक स्तरा वयर सखोल, व्यापक आनि विकसित करनुं आपण्याले भविष्य उज्वल करचे खातिर दिलिलि एक संधि आसा म्हण्णुं स्वीकारचें अपेक्षित आसता. पुण स्रिश्टींतु जे भूकंप, वादळ, ज्वालामुखी, रान–अरण्यांचो विध्वंस, वातावरणांतलो बदल जायत आसताचि ते सर्वस्वी मनुष्याले लोभ आनि अविवेकाक लागून संभवता, हें ध्यानांतु दवरचें तशें आसा.

भारतांतु अनादि काळापासून वर्तमान काळा पर्यंत अध्यात्मविद्येचो अविष्कार आनि प्रसार जितलो व्यापक रीतीन जालिलो आसा तितलो खंयचेयी देश प्रदेशांतु जालिलो ना. परंतु आयज पाश्चात्य संस्कृतीचो प्रभाव जास्त सखोल पडिल्यान सामान्य जनांक वैदिक विचार आनि संस्काराचें अध्यात्मिक ज्ञान–विज्ञाना पेक्षा पाश्चात्य संस्कृतीचें भौतिक ज्ञानानाचें आकर्षण जास्त प्रभावित करत आसा. कृष्णान जें अर्जुनाक उद्देशून कुरुक्षेत्राचे रणभूमीवयर द्वापर युगांतु सांगलें तें आयजचे कलियुगांतु सुद्धा सखोळ लागू पडता, हें समजचाक जाय. अर्जुनाक मोहांतु पडिल्यान आपण्याले गुण स्वभावाक लागून प्राप्त जालिलो स्वधर्म आनि स्वकर्माचो विसर पडिलो आसता. वर्तमान काळांतले मनुष्याक भौतिक पातळीवयले आकर्षणाक लागून पुरातन काळापासून वैदिक विचार आनि संस्कारान प्रतिपादन केलिले अध्यात्मिक ज्ञान–विज्ञानाचो विसर पडला. तांका यज्ञ म्हळयार कितें कर्म कित्याक म्हणताचि हें समजिलें नाशिल्यान तांगेले मुखार अंधःकाराचो पडदो पडिलो आसा. देकून कृष्णालो अर्जुनाक दिलिलो संदेश समजून घेवचें आवश्यक आसा.

पयलें भौतिक पातळीवयल्यान अर्जुनाक आत्मा आनि अनात्मा जावनुं आशिल्ले शरीराचे विष्लेषण करनुं कृष्ण अर्जुनाक अर्जवून सांगता किं तनें इहलोकांतलें भोगैश्वर्य किंवा स्वर्गांतले सुखाचि आसक्ति करत नासताना आपण्याले कर्म गुण स्वभाव आनि स्वधर्माक लागून आपण्यलें कर्म करचाक जाय – ''कर्मण्येवाधिकारास्ते मा कलेषु कदाचन । मा कर्मफ़लहेतुर्भूर्मा ये संगोऽस्त्वकर्मणि ॥''.

निष्काम कर्म म्हळयार जें कर्म कर्मफ़लाचि इच्छा, आशा, अपेक्षा धरत नासताना करचांतु येता. कर्म फ़लाचि इच्छा, आशा, अपेक्षा धरत नासाताना करचें कर्म ल्हानांतले ल्हान आसल्यारियी तें श्रेयस्कर आसतालें. आनि कर्म फ़लाचि इच्छा, आशा, अपेक्षा धरनुं केलिलें कर्म महान् आसल्यारियी तें श्रेयस्कर आसचें ना. कृष्ण सांगता किं निष्काम कर्म करचे मनुष्याक आपण्यालें कर्म असफ़ल जातालें म्हण्णुं भय आसना, कारण ताका मूळांतु कसलेयी अपेक्षा आसना. जो मनुष्य अपेक्षा करना ताका हो मार्ग धरचो, तो मार्ग सोडचो, हे तरेन चलचें, ते तरेन न्हंय, हें फ़ळ स्वीकारचें, तें फ़ळ नाकारचें, असले द्वंद्व विचार त्रास दिवचे नांचि. एक मार्ग, दुसरो मार्ग हें मनुष्याले सीमित अहंकाराक लागून घेवचो निर्णय आसता, जेन्नां मनुष्य कर्म फ़लाचि आसक्ति करत नासताना परमात्मालें माध्यम म्हण्णुं कर्म करता तेन्नां निर्णय परमात्माले असीम अहंभावनेक लागून आसता. देकून जें फ़ला प्राप्त जाता तें श्रेयस्करचि आसून परमानंद आनि दिव्य सुख निश्चित प्राप्त जातालें.

दॆकून जॆ योगाचॊ विषय – ''योगस्थ कुरु कर्मणि संगं त्यक्त्वा धनंजय । सिद्ध्यसिद्ध्योः समो भूत्वा समत्व योग उच्यतॆ ॥'' म्हण्णुं कृष्ण उलयता, तॊ द्वंद्वा मदलॆं निर्द्वंद्व अवस्था आसून थंय परमात्मालॆ अस्तित्वाचॊ स्रोत अनुभवचांतु यॆता. 'योगस्थ' म्हळयार अहंकार आनि संसाराचे द्वंद्व, निष्काम आनि सुख–दुःखाचॆ पॆलतडॆन वचून स्वतःचॆ आत्मांतु रत म्हळयार रस घॆत योगयुक्त जावनुं आसचॆं. कारण फ़लाचॆ आसक्तीन कॆलिलॆं मन आनि कर्म कॆन्नांयीं धुंवरान झांकिल्लॆ अग्नि तरॆन आसता – ''दूरेण ह्यवरं कर्म बुद्धियोगाद्धनंजय ।''. यॊगयुक्त मनुष्य तॊ आसता जॊ चुनाव कॆलिल्यान सुख समाधन प्राप्त करना पुण चुनाव करत नासताना मन अविचल आनि श्रद्धा स्थिर दवरनुं सुख समाधन प्राप्त करता.

ज्ञानि मनुष्य सामान्य मनुष्यालॆ तरॆन विचार करना. तॊ जाणता आनि मानता किं जॆं उपलब्ध आसा तें सर्व परमात्मान दिलिलॆं आसा. दॆकून ताका कांयि मागचॆ आवश्यक ना. दॆकून तॊ याचना करना; तागॆलि प्रार्थना कांयी मागचाक न्हंय, याचना करचाक न्हंय, मॆळॊवचाक न्हंय तर जॆं कांय परमात्मान दिलिलॆं आसा ताजॆ खातीर धन्यवाद दिवचाक, आभार प्रदर्शन करचाक, भितर आशिल्लॊ भाव भायर व्यक्त करचाक एक असमर्थ प्रयत्न जावनुं आसता. जॆन्नां कॆलिलॆ कर्म निष्काम असता तॆन्नां कॆलिलॆं प्रत्येक कर्म प्रार्थनॆंतु परिवर्तन, रूपांतरित जाता. मनुष्यालॆं चैतन्य समाज आनि समयाचॆ पॆलतडॆन वचून परमात्मालॆ चैतान्यांतु समावेश जावनुं काडिल्लॊ निर्णायक अखॆरचॊ निष्कर्ष, प्राप्त जालिलॆं अंतिम लक्ष्य आसता. ज्ञानी मनुष्य हॆ तरॆन वॆदांतलॆ शब्दांचॆ अनेक व्यक्त जालिलॆ विचार परिशीलन करनुं, साधना करनुं संसारांतल्यान मुक्त जावनुं परमात्मालॆ परम पद प्राप्त करता. दॆकून कृष्ण म्हणता मनुष्यान ज्ञानपूर्वक कर्म करका कारण कर्मफ़लाचॆ आसक्तीन करचॆं कर्म क्षुल्लक आसता – ''बुद्धौ शरणामान्विच्छ कृपणाः फ़लहेतवः ॥.

सामान्य मनुष्यालॆं मन ऊर्ध्वगतीचॆ दिशॆन शॊध घॆत आसल्यार तागॆलि इंद्रियं अधॊगतीचॆ दीशॆन मनाक व्हरत आसताचि. सर्व साधारण मनाचि गति सुरवातीक सूक्ष्म आसता जि अंताक इंद्रियांचॆ प्रभावक लागून स्थूल जाता. मनांतलॆ अवकाशांतु जॆ अनेक सूक्ष्म तरंगं उठताचि तॆ स्थूल विचाराचॆ रूपान अभिव्यक्त जाताचि. मन नीच विचार तॆचि तरॆन ऊंच विचार करू शकता. मनुष्यालॆं मन खंयचॆ तरॆन नीच विचार करनुं अधॊगतीक वता तें कृष्ण दाखयता. एक मनुष्याक एक वस्तूचि इच्छा, कामना तीव्र, खोल आनि विस्तारित आसा आनि ती पूर्ण जायना, तर तागॆलॊ असंतोष तीव्र, दुःख दारुण आनि विस्तारित जाता. ताजॆ विपरीत जर मनुष्य स्थितप्रज्ञ आसल्यारि मनुष्यालॆ मन इंद्रियान प्रभावित आनि विषय वासनॆन आसक्त जायना. ताका कसलॆयी वस्तूचि इच्छा, कामना आसना. वस्तु मॆळ्ळॊ म्हण्णुं आनंद असना, वस्तु मॆळ्ळॊ ना म्हण्णुं दुःख ना. तॊ रसाचॊ आस्वाद घॆवचॆ पासून दूर आसून तागॆलि प्रज्ञा परमात्मा दिशॆन वळनुं प्रतिष्ठित जाता. जॆन्नां मन बुद्धीन प्रभावित जाता तॆन्नां तें श्रेय आनि प्रेय दॊन्निंयी त्याग करनुं मनुष्य योगाचॆं संतुलन साधता. किंबहुना योग हें संतुलित कर्माचॆं कौशल्य आसता – ''बुद्धियुक्तो जहातीह उभे सुकृतदुष्कृते । तस्नाद्योगाय युज्ज्यस्व योगः कर्मसु कौशलम् ॥''.

अध्यात्माचॆ जीवन वयलॆ पातळीवयरचॆं ज्ञान–विज्ञानाचॆं स्रोत, ज्ञान गंगा आसून वयलॆ शिखराचॆ पासून सुरु जावनुं सकयल विस्तारिलॆ भौतिक भूतलाचॆ मॆळिलॆ दिशॆन चलत, मॆळिलॆ प्रदेशांतु वाट काडत, मॆळिलॆ दिशॆन चलत, मॆळिलॆ जनांलॆ सहवासांतु सुख–दुःख अनुभवत, तागॆलॆं जीवन सुपीक, सृजन करत संसाराचॆ जन–मरणाचॆ द्वंद्वाचॆ बंधनांतल्यान परमात्मालॆ निर्द्वंद्व अनंत सागराचॆ कुशींतु परम पद प्राप्त करता – ''कर्मजं बुद्धियुक्ता हि फ़लं त्यक्त्वा मनीषिणः । जन्मबंधविनिर्मुक्ताः पदं गच्छंत्यनामयम् ॥''..

जॆन्नां मनुष्य ज्ञान–विज्ञान प्राप्त करनुं मॊहाचॆ अस्पश्ट द्वंद्व भ्रमाचॆ पॆलतडॆन वचून जॆं अयकुवचॆं आसता आनि जॆं आयकल्लॆं आसा ताजॆ पासून प्रभावित जाय नासताना व्यापक आनि सखॊल जीवन जगता – ''यदा तॆ मोहकलिलं बुद्धिर्व्यतितरिष्यति । तदा गंतासि निर्वेदं श्रोतव्यस्य श्रुतस्य च ॥''. परमात्मालॆ निर्द्वंद्व, अद्वितीय अस्तित्व अनुभविल्यान उपनिषदांतु सांगिल्लॆ तरॆन आयकुवचांतु यॆनाशिल्लॆं आयकुवचांतु यॆता, विचार

करचाक येनाशिल्लें विचार करचांतु येता, अज्ञात आशिल्लें ज्ञात जाता – ''येनाश्रुतं श्रुतं भवत्यमतं मतमविज्ञातं विज्ञातमिति''.

अध्यात्म ज्ञान–विज्ञान प्राप्त जालिल्यान विंगड कांयि प्राप्त करचें आसना. जें कर्म फ़लाचि अपेक्षा आसनासताना आपण्याले गुण आनि स्वभावाक लागून करचांतु येता तें परमात्मालें कार्य जावनुं परिवर्तन जाता. जाका लागून एक अद्वितीय योग स्थिति प्राप्त जाता, जेन्नां वेग–वेगळे शास्त्र वाचिल्यान भ्रमिष्ठ जालिलें मन स्थिर जाता. मन नियंत्रणेंतु हाडचाक कृष्ण कसलेंयि विशिश्ट कार्य करचाक–धरचाक, तप–त्याग करचाक सांगना. स्वत:चे कश्टान कमयिलि सत्ता–संपत्ती, घर–गृहस्ति, संसारांतले बायल–चेरडूवं, सगे–सोयर्यांक त्याग करनुं राना–वनांतु वचून वास्तव्य करचाक सांगना तर स्वत:चे इंद्रियं आनि मनावयर नियंत्रण दवरनुं विचार करताना, उत्रं उलयताना, कर्म करताना संयम दवरनुं स्वत:चो अहंकार, विषयांचि आसक्ति त्याग करचाक सांगता. जाका लागून ज्ञान–विज्ञानाचे पेलतडेन आशिल्लें अस्तित्व समत्व बुध्दीन प्राप्त जातालें. कृष्ण ते योगाचे स्थितीक – ''योग: कर्मसु कौशलम् ॥'' म्हण्णुं संबोधित करता कारण हे योगांतु मनुष्याक संसार सोडचें पडना पुण संसारांतु ऊरनुं संसारांतले द्वंद्वा पेलतडेचें समत्व आनुभवता. मन मोहाक लागून कलुशित जावचें ना तेन्नां आयकल्लें आनि आयकूवचें पेलतडेनचें असचें वैराग्य प्राप्त जाता – ''श्रुतिविप्रतिपन्ना ते यदा स्थास्यति निश्चला । समाधावचला बुद्धिस्तदा योगमवाप्यसि ॥''.

आतां पर्यंत जें कृष्णान सांगलें तें सर्व अर्जुनान आयकलें. पुण अर्जुन विचार करचो मनुष्य आशिल्यान समाधानकारक स्पश्टीकरण मेळे शिवाय तो कांयि स्वीकारचाक तयार ना. संसारंतु ताणें अनेक साधु–संत, योगि–सन्यासी पळयल्याचि. पुण थोडे जणांले वैराग्या विशय ताका संदेह आशिल्यान तो आतां स्थितप्रज्ञ कशें आसता, कशें उलायता, कशें वागता तें वर्णन करचाक सांगता. कृष्ण प्रत्युत्तर दीत सांगता किं जो अंत:करणांतल्यान सर्व इच्छा, आशा, कामना, आसक्ती त्याग करनुं थंय केवल आत्माचे सान्निध्यांतु सुख, आनांद अनुभवता तो स्थितप्रज्ञ म्हण्णुं ओळखुवचांतु येता. तागेलें मन ज्ञान–विज्ञानान स्थिर आसिल्यान तो दु:खान उद्विग्न जायना, सुखान फ़ुरफ़ुरना, आसक्त जायना, भय, क्रोधान प्रभावित जायना. जेन्नां शुभ–अशुभ प्रसंग येताचि तेन्नां तागेले मन अस्थिर जायना. तें स्वीकारना किंवा त्याग करना. तो मौनावस्थेंतु आशिल्लो मुनि तरेन शांत, निर्विचार आसून अंतरमुख जावनुं आपण्याले मन आनि चैतन्य इंद्रियां भितर कवटाळनुं घेता जे तरेन कासव आपण्याले पाय भितर ओढनुं घेता – ''यदा संहरते चायं कूर्मोऽंगानीव सर्वश: । इंद्रियाणींद्रियार्थेभ्यस्तस्य प्रज्ञा प्रतिष्ठिता ॥''. असले मनुष्याले मनांतल्यान विषयांचि वासना गळनुं पडताचि आनि ताका परम ज्ञान प्राप्त जाता.

गौतम बुद्ध म्हणताचि की मनुष्यालि कामना तीन तरेचि आसताचि – जें धन–धान्य, संपत्ति–ऐश्वर्य, घर–दार, आप्त–बांधव आपण्याक लाभले ना तें प्राप्त करचाक आसचि आसक्ति ही पयलि कामना. जें स्थान, अधिकार, प्रतिष्ठा आपण्याक लाभलि ना ती प्राप्तकरचाक आसचि आसक्ति ही दुसरी कामना. अंत:करणांतु दया, करुणा, कृपा उपजून आपण्यालें धन–धान्य, संपत्ति–ऐश्वर्य, घर–दार, स्थान–अधिकार–प्रतिष्ठा त्याग करचाक आसचि आसक्ति जी तिसरी आनि अत्यंत कठीण तिसरी कामना आसता. जो हे तीन इच्छा–कामने वयर प्रभुत्व प्राप्त करता तो सर्व विश्वा वयर प्रभुत्व करू शकता. कृष्ण मनुष्याले मनवायर इच्छा–कामनेचो प्रभाव जाणतालो. देकून ताणें पयलेंचि इच्छा–कामना मनांतु अंकुर जावचें कारण आनि तें अंकुर प्रथमावस्थेंतु मनांतल्यान समूळ नश्ट करचे उपाय सांगिल्लो आसाचि.

कृष्ण म्हणता किं ज्ञानी मनुष्यालें मन सुद्धां विषयांक लागून अस्थिर विचलित जावचें शक्य आसता. देकून जो मनुष्य आपण्याले इंद्रियांक सर्व दिशेन नियंत्रणेंतु दवरता तो प्रज्ञेंतु प्रतिष्ठित आसता म्हणचाक जाय. देकून कृष्ण जे तरेन इच्छा, कामना विस्तारित जाता ती प्रक्रिया सांगता. पयलें प्रथम जेन्नां मनुष्य वस्तु–पदार्थाविशय आसक्त जाता तेन्नां इंद्रियांचे प्रभावाक लागून स्थूल वस्तूंचे आकर्शण निर्माण जाता, जें आकर्षण

इच्छा, कामनेंतु परिवर्तन जावनुं मनुष्याले मन आपण्याले दिशेन  खेंचून घेता. सामान्यतः मनुष्य समजता किं वस्तु त्याग केलिल्यान ती वस्तु त्याज्य जाता. पुण भेगीं ताका समज येता किं वस्तु त्याग केल्यारियी वस्तूचि आशिल्लि स्मृति, आकर्षण, ओढ मनुष्याक ती वस्तु पूर्ण तरेन त्याग करचाक दीना. कामानेचि मनावयर प्रक्रिया तीक्ष्ण, तीव्र आनि प्रभावी आशिल्यान ती इच्छा–कामना सफ़ल करचाक मनुष्य सतत धडपडत आसता.  प्रयत्न असफ़ल जाल्यार ती असफ़लता क्रोधांतु रूपांतरित जाता. जशें जशें असफ़लतेचो काळ–समय वाढता तशें तशें क्रोध वाढनुं मोहाचि सावळी ताका पावूल पावलान पाठ लागता. क्रोध आनि मोह तीक्ष्ण, तीव्र जावनुं स्मृति भ्रष्ट जाता. स्मृति भ्रष्ट जालिल्यान बुद्धी विकृत जाता, बुद्धी विकृत जालिल्यान मनुष्यालें जीवन विस्खळीत, व्यर्थ आनि विनाशाचे दिशेन वता – ''ध्यायतो विषयान् पुंसः संगस्तेशूपजायते । संगात्संजायते कामः कामात्क्रोधोऽभिजायते ॥ क्रोधाद् भवति संमोहः संमोहात् स्मृतिविभ्रमः । स्मृतिभ्रंशाद् बुद्धिनाशो बुद्धिनाशात् प्रणश्यति ॥''.

सर्व सामान्य जन विवेक बुद्धि पेक्षा इंद्रियांन जास्त प्रभावित जायत आशिल्यान तागेलि भावना, प्रवृत्ति बहिर्मुख आसता, अंतरमुख न्हंय. देकून मनुष्य तेंचि पळयता जें तागेले इंद्रियांचे माध्यमांतल्यान पोळोवचांतु येता. ताका भायर शरीराचे भौतिक पातळीवयलें दारिद्य दिसता देकून तो भियेता. ताका भितर शरीराचे अध्यात्मिक पातळीवयलें दारिद्य अज्ञात आशिल्यान जाणवना, देकून तो भियेना. संसारांतले आवय–बापय, घोव–बायल, पूत–धूव, आप्त–बांधव, सगे–सोयरे, धन–धान्य, घर–दार, संपत्ति–ऐश्वर्य, स्थान–अधिकार–प्रतिष्ठा नाश जावचि हुरहुर आसता. भितरलें चैतन्य संवेदनशील नाशिल्यान अंतःकरणांतलो आत्मा दुश्काळ सहन करत आसता. किंबहुना भायले इंद्रियांचे प्रभावाक लागून पसरिलो संसार ताका भितर आशिल्ले आत्माचें रूपमैश्वर्य आत्मसात् करचाक अडथळे निर्माण करता, जे तरेन भौतिक पातळीवयर झगझगचे आकर्षक किरणांचो प्रकाश अध्यात्मिक पातळीवयले सूर्यालें उगम स्थान, प्रेरणेचें अधिष्ठान, सृजनशक्तीचें स्रोत शोधाचांतु व्यत्यय हाडता.

जेन्ना कृष्ण भाव, भावना हे शब्द वापरता तेन्नां ते आत्माचे अविर्भाव हे अर्थान उपयोजनेंतु हाडता. सर्व सामान्य मनुष्य इंद्रियान प्रभावित जालिले आपण्याले पशु स्वभावा वयर प्रभुत्व प्राप्त करत नासतना आपण्याले भाव, भावना तामस, म्हळयार अज्ञानाचे अंधःकारांतु ढकलता. जाका लागून ताका तागेले अंतःकरणांतु आशिल्लो आत्मा अज्ञात आसता. देकून तागेलि सर्व खटपट भायरचे शरीराचे सुख आनि अभिवृद्धि खातिर आसता शिवाय भितरले आत्मोन्नती खातिर न्हंय. असले जन खंयचेयी कुळांतु जन्म घेतल्यारियी ते गुण स्वभावान शूद्रचि आसताचि. ताजे उलट जे जन भायरचे शरीराचें सुख आनि अभिवृध्दी खातिर करचि सर्व खटपट व्यर्थ आसता म्हण्णुं माननुं अज्ञानाचे अंधःकारांतल्यान जागे जावनुं आपण्याले संसारांतलि भौतिक अभिवृधि, समाजांतलि आर्थिक व्यवस्था सांभाळचाक आनि अंतःकरणांतु अज्ञात आशिल्ले शुद्धस्वरूप आत्माविशय आकर्शित जावनुं  आत्मोन्नती खातिर करचें कर्म यज्ञ–कर्म म्हण्णुं करताचि ते जन खंयचेयी कुळांतु जन्म घेतल्यारियी ते सात्विक गुण स्वभावाचे ब्रह्मज्ञानी आसताचि. जेन्नां मनुष्य आपण्याले गुण स्वभावाक अनुरूप कर्म करता तेन्नां सर्व सुख–दुःखाचे समाधान जाता. सर्व तापत्रय नाश जाताचि, तागेले बुद्धि शांत जावनुं प्रज्ञेंतु प्रतिष्ठित जाता. जो बुद्धि पासून अयुक्त, वंचित आता ताका सुख कसलें आसतालें? बुद्धीक लागून जो युक्त, संलग्न आसता ताका दुःख कसले आसतालें ? कृष्ण एक महान् मनोवैज्ञानिक आशिल्यान स्पश्ट सांगता ''नास्ति बुद्धिरयुक्तस्य न चायुक्तस्य भावना । न चाभावयतः शांतिर्शांतस्य कुतः सुखम् ॥''.

अयुक्त म्हळ्यार जो योगांतु सर्वस्वी एकरूप, एकात्म जालिलो ना तो. तागेलि बुद्धि आनि भाव स्थिर आसनांचि. अयुक्त मनुष्य आपण्यालें अस्तित्व विंगड आनि परमात्माले अस्तित्व दुसरे म्हण्णुं समजता. देकून ताका दुसरे अस्तित्वा पासून सुख, शांतीचि अपेक्षा आशिल्यान तो केन्नांयी दुसर्या वयर निर्भर, अवलंबून आसता. देकून नित्य राग आनि द्वेश असले द्वंद्व विचारांतु अडखळत योगांतु सर्वस्वी एकात्म जावू शकना. ताका जीवनांतु सुख, शांति आनि समाधान ना. तो भावनाशून्य जावनुं सुख, शांति आनि समाधान इंद्रिया मुखांतर

विषय वासना उपभोग करत संसाराचे बंधनांतु  आसता. इंद्रियांचे प्रभावान प्रक्षुब्ध जालिले मन नियंत्रणेंतु नासल्यार मनुष्यालि विवेकबुद्दि कशें स्थिर आसतालि? विवेकबुद्दि स्थिर नासल्यार थंय आत्मज्ञानाचि तहान कशें जागि जातालि? आत्मज्ञानाचि तहान जागि जालि नासल्यार थंय शांति कशें लाभतालि? तागेलें मन जर शांत ना तर अंत:करणांतले आत्माअचें ज्ञान लाभचें नाशिल्यान परमात्माले ज्ञानाक सुद्धां तो निश्चितरूपान वंचित जातालो – ''इंद्रियाणां हि चरतां यन्मनोऽनुविधीयते । तदस्य हरति प्रज्ञां वायुर्नावांभसि ॥''. ''मुक्तताका यह मंथन । अन करता जिसका मन । जकडा जाता वह जाना । विषयागिकोंनें ॥ ... बीजको आगमें भूनकर । बोनेसे नहीं आता अंकुर । वैसा सुख नहीं पाताअ नर । है जो अशांत ॥'' (ज्ञानेश्वर).

केवल आत्मा बरोबर सहवास न्हंय तर आत्मांतु संलग्न जावनुं आसचें हें युक्त जावनुं असचे मनुष्यालें लक्षण जावनुं आसता. आत्मांतु संलग्न जावनुं आसचें म्हळयार तागेलें अस्तित्व आत्मापासून विंगड न्हंय तर तागेलें अस्तित्व परमात्मालेंचि प्रतिबिंब जावनुं आसा म्हण्णुं मानचें आसता. जो स्वत:चे आत्मांतु संलग्न, जोडनुं आसता ताका शांति प्राप्ति करचाक विंगड कायियीं करचें अवश्यक ना. कारण तो परमात्मालोचि अंश म्हण्णुं अनुभवत आशिल्यान तागेलागीं सर्वस्व, सर्व कांय आसा. शांति म्हळयार सुख समाधान न्हंय तर अंतरमनांतलि तृप्ति, संतुश्टि. सर्व संसार जरी सोडचो पडलो, स्रिश्टींतले सर्व सूर्य, चंद्र जाग्यवयल्यान बदलले, नक्षत्रं बिथरलीं, आकाश पडलो, पृथ्वि दुभंग जालि, सागर सुकलो, वारो व्हांवनासो जालो, शरीर पडलें तरी अत्मा नित्य निरंतर आसतालो हो आत्मविश्वास, आत्माचोचि भाव, श्रद्धा आसल्यारि पुरो विंगड कांयी नाका.

अयुक्त आनि युक्त हे मनुष्याले स्थायी भाव न्हंय. अयुक्त अशिल्लो मनुष्य युक्त जावूं शकता, युक्त अशिल्लो मनुष्य अयुक्त जावूं शकता. अयुक्त मनुष्याले मन अशांत असता, शांत आसू शकना. युक्त मनुष्यालें मन सदा शांत असता, अशांत आसू शकना. ज्ञानी मनुष्याले मन आपण्याले आत्मांतु युक्त जावनुं आशिल्यान ताका शांति आत्माक लागून न्हंय तर आत्मांतु उपलब्ध आसता. जेन्नां जीवन आशांत, अस्थिर आसता  तेन्नां समजका किं जीवन इंद्रियांक लागून चंचल, अस्थिर आसता. इंद्रिय स्थिर आसल्यार मन स्थिर आसता; मन स्थिर आसल्यार इंद्रिय स्थिर आसताचि. देकून कृष्ण अर्जुनाक आग्रहान सांगता, ''तस्माद्यस्य महाबाहो निगृहीतानि सर्वशः । इंद्रियाणींद्रियार्थेभ्यस्तस्य प्रज्ञा प्रतिष्ठिता ॥''. ''अपने आप यदि अर्जुन । किया है इंद्रियोंको आधीन । पाना कछु रहा नहीं जान । इससे अधीक ॥ कछुवा जैसे अपने फ़ैलाता । अवयव जब वह चाहता । नहीं तो इच्छासे स्सिकोड लेता । अपनेमें आप ॥ इंद्रियां जिसकी आपनी होति । वह कहें जैसी ह बरसती । जानो वह हुवा है स्थिर मति । धनुर्धर तू ॥'' (ज्ञानेश्वर).

हें जो जाणता ताका सर्व दिशेन सूर्यालो प्रकाशूचि प्रकाश पसरिलो दिसता. जो कोण हें जाणना तो अंध:कारांतु अंधान अंधाक शोधिले तरेन तो सर्व आफ़ुडत आसता. देकून संसार ज्ञानीक सुखाचो आसू शकता, जो संसार अज्ञानीक दु:खदायक आसता. जो गीता वाचून, शब्दार्थ समजून गूडार्थ आत्मसात् करचाक जीव–प्राण एक करता ताका गीता असत्या पासून सत्याचे दिशेन, काळोखांतल्यान प्रकाशा दिशेन, मृत्यु पासून अमृतत्वा दीशेन व्हरता. पुण गीता वाचून जो केवल शब्दार्थ समजून ते ज्ञानान संतुश्ट आसता ताका गीतेंतलो गूडार्थ किंवा सत्य समजचें ना, ज्ञानोदय जावनुं प्रकाश दिसचो ना, अमृतत्व प्राप्त जावचें ना. जेन्नां सर्व जनसामान्य संसारांतले क्षणभंगुर आकर्शणेक लागून अंध:काराचे अज्ञानांतु वावुरताचि तेन्नां स्थितप्रज्ञ अविनाशी ज्ञानाचे प्रकाशरूपी दिवस अनुभवनुं कसलोयी विकार मनांतु येत नासताना शांत, तृप्त जीवन जगताचि – ''या निशा सर्वभूतानां तस्याम् जागर्ति संयमी । यस्यां जाग्रति भूतानि स निशा पश्यतो मुनेः ॥ .. स शांतिमाप्नोति न कामकामी ।''. तो संपूर्ण इच्छा, कामना त्याग करनुं ममता अनि अहंकार नाशिल्लें जीवन अनि शांति प्राप्त करतालो – ''विहाय कामान्यः सर्वान्पुमांश्चरति निस्पृहः । निर्ममो निरहंकार स शांतिमगच्छति ॥''. हीचि ती परम

ब्राह्मीस्थिति, जी प्राप्त जालिल्यान मनुष्य मोहांतल्यान मुक्त जावनुं अखेरचे काळांतु मन निश्ठेंतु स्थिर जावनुं ब्रह्म निर्वाण प्राप्त करता.

असलें मनुष्याक विश्वांतु प्रश्नें पडचे नांचि. तांगेलें जीवन निर्द्वंद, निष्काम तत्वावयर आधारित जावनुं आशिल्लें दिसून येता. कृष्ण सांगता चैतन्याक अवसर दी. चैतन्य प्रकाश पसरायता, वेव्हारिक मन न्हय. कारण वेव्हारिक मन द्वंद्वांतु वेंचता, एक धरता दुसरें सोडता. एक दाबून दवरता, दुसरें सढळ सोडता. पुण तो जाणना किं दाबून दवरिलें मन अकस्मात् उसळून सर्व बंधनं तोडनुं भायर पडता. जें भायर पडता, तें भयंकर असता. अनिश्चित, अनियंत्रित, अनिर्धारित मन संघर्षाक अवकाश दिता. मनुष्यालें जीवन संघर्षान त्रस्त आसता. संघर्ष नरक असता. संघर्षाचे काळोखांतल्यान सुटकारो शोधका, सुटकारो मेळता. कृष्ण सांगता मनावयर अवलंबून ऊरनाका, भितरलें चैतन्याक शरण वचून संरक्षण घे. चैतन्यावयर भार दवरल्यार मन आरश्यातरेन स्वच्छ जावनुं सूर्या तरेन दिव्य प्रकाश पसरायत जीवनांतलें संघर्ष समूळ नश्ट करतालें. चैतन्याचो अनुभव परब्रह्मालो अनुभव सादृश्य असता, जो जालिल्यान मनांतले सर्व संशय नाश जाताचि, सर्व बंधन तुटताचि अनि मोक्षाचें द्वार पूर्ण तरेन उघडता – ''भिध्यते हृदयग्रंथि छिद्यंते सर्व संशया: । क्षीयंते चास्य कर्माणि तस्मिन् दृश्टे परावरे ॥'.

अर्जुनालि जिज्ञासा सर्व सामान्य मनुष्या तरेन संसारांतले आप्त–बांधव, सगे–सोयर्यांलें शरीर नाश जावचे विशय क्षणिक तापत्रय आनि मनांतु निर्माण जालिलें मोहाक लागून भौतिक आशिल्लि. देकून संसारांतले प्रश्न्यांक तर्क–वितर्क करनुं पळवाट काडचाक प्रयत्न करता. पुण मनुष्य धार्मिक जिज्ञासाक लागून कळत नकळत अध्यात्मिक मार्गावयर धुंकळचांतु येता. कृष्ण एक महान् दृश्टा जावनुं आशिल्यान संसारांतलें तापत्रयान आंध जालिलें अर्जुनाक अध्यात्माचें अंजन लावनुं द्रिश्टी तेज करता. जाका लागून अर्जुनालें भौतिक पातळिवयलो विशाद, कुतूहल आनि ऊर्जाशक्ति अध्यात्मिक जिज्ञासेंतु सकारात्मक रीतीन परिवर्तन जाता. हो कृष्णालो पयलो प्रयत्न आसता. अर्जुनाक भौतिक विशाद अभिशाप जावू शकतालो, पुण तो कृष्णालें हातांतु सृजन जावनुं आध्यात्मिक वरदान जालो. कृष्ण हें स्थितीक ब्राह्मी स्थिति म्हण्णुं संबोधन करता – ''एषा अब्राह्मी स्थिति: पार्थ नैनां प्राप्य विमुह्यति । स्थिथ्वाऽस्यामंतकालेऽपि ब्रह्मनिर्वाणमृच्छति ॥''.

गंगा सागराक मेळिल्यान सागरांतु कसलोयी बदल जायना. गंगा सागर जायना पुण सागरांतु मिलन जालिल्यान अत्यंत्य समाधान अनुभवता. ज्ञानि जनांक परमात्मालें परम पद प्राप्त जालिल्यान तें परमात्मा जायनांचि पुण जीवनांतालें सर्व क्षण सुख–दु:खाचे, शुभ–अशुभाचे, पुण्य–पापचे, श्रेय–प्रेयाचे सर्व प्रश्नें भगभगचे ज्ञानाग्नींतु भस्मीभूत जावनुं तागेलें मन शांत स्थिती प्राप्त करताचि – ''आपूर्यमाणमचलप्रतिष्ठं समुद्रमाप: प्रविश्यंति यद्वत् । तद्वत्कामा यं प्रविश्यंति सर्वे स शांतिमाप्नोति न कामिकामी ॥''. ''सरिता ओघ यदि समस्त । करते हैं जल समर्पित । तोभी रहता जैसे सीमित । आपनी सीमामें ॥ अथवा ग्रीष्मकालमें सरिता । सुखालेति हओ प्रवाह सर्वथा । किंतु उसमें न्यून नहों आतस । समुद्र जैसे ॥ .. वैसे ही पानेसे ऋद्धि सिद्धी । नही क्षोभति उसकी बुद्धि । न मिलनेसे उसकी बुद्दि । न होतो उदास ॥'' (ज्ञानेश्वर).

००००० 



# *अध्याय तिसरो*
# *कर्मयोग*

संसारांतु मनुष्याले प्रत्येक प्रश्न्याक तागेले मुखार अनेक विकल्प आशिल्यान कृष्ण वेग–वेगळे माध्यम, मार्ग सुचयता. किंबहुना लक्ष्य जर निश्चित जालें आनि दृश्टीकोण योग्य दिशेन आसल्यार खंयचेंयि माध्यम किंवा खंयचोयी मार्ग स्वीकरल्यारियी मनुष्य लक्ष्य प्राप्त करूं शकता म्हण्णुं कृष्ण सांगता. पुण लक्ष्य जरि निश्चित आनि माध्यम, मार्ग उपलब्ध आसल्यारियी जर मनाचे द्वार बंद आसल्यार ताका लक्ष्य प्राप्त जावचें ना. देकून जर  अर्जुनालो मनांतु श्रद्धा जागी जावनुं बंद द्वार उघड आसल्यार गुरु ज्ञान–विज्ञानाचे अधारान तागेले गुण स्वभावाक लागून मोहाक लागून संसारांतु निर्माण जालिलो द्वंद्व नाश करचाक खंयचि माध्यम योग्य, खंयचो मार्ग सुलभ, सरळ, श्रेयस्कर, खंयचे माध्यम उपयोजक जातालें म्हण्णुं दाखयता. कारण लक्ष्य तागेले भितर अंतरंगांतु आशिल्यान आशिल्यान तें ताका निश्चित प्राप्त जातालें.

जन्म जालिले पासून मनुष्य इंद्रिय आनि समाजांतले संस्कारांचे प्रतिक्रिया बिंबित जालिल्यान तागेले मनांतु द्वंद्व निर्माण जावचें सहज आसता. अर्जुनाक जीवनांतु शक्ति, सामर्थ्य, शौर्य आनि कीर्त प्राप्त जालिलि आसल्यारियी तागेलो मनांतु आप्त–बांधवांले मोहाक लागून शांति ना. कृष्णान जें थोडे स्पश्टीकरण दिलिलें तें मेळिल्यान अर्जुनाक समाधान ना. सामान्यतः जर मनुष्याक दुसर्यान सांगिल्लें समजना किंवा तागेलो मनांतलो संभ्रम विसर्जन जायना तर ताजें उत्तरदायित्व तो स्वतः घेत नासताना दुसर्यांक दीत आसता. देकून जरियी तागेलो मोह अज्ञानाक लागून निर्माण जालिलो आसा आनि ज्ञानाक लागून तो नाश जावचो आसा तरियी कृष्ण ताका युद्धा तसलें घोर कर्म करचाक कित्याक प्रवृत्त करता म्हण्णूं तो कृष्णावयर सरळ आरोप करत म्हणता – ''ज्यायसि चेत्कर्मणस्ते मत बुद्धिर्जनार्दन । तत्किं कर्मणि घोरे मां नियोजसि केशव ॥ व्यामिश्रेणेव वाक्येन बुद्धिं मोहयसीव मे । तदेकं वद निश्चित्य येन श्रेयोऽहनाप्नुयात् ॥''. आनि कर्मयोग आनि सांख्ययोग एकमेकांपासून वेगळे नासल्यार ते दोन मार्गांतु खंयचो मार्ग योग्य आनि निश्चित आसा हे सांगका म्हणता. ''भटकना जैसे अंधेको । मद्या पिलाना मर्कटको । वैसा उपदेश हमको । देता सुंदर ॥ पहले ही मैं हूं अज्ञान । फ़िर मोहग्रस्त महान । विवेक मैंने यह मान । तुझसे पूछा ॥ देव ! है तेरी निराली बात । उपदेशसे चित्त भ्रमित ।  ऐसे करना है क्या उचित । आपनोंसे ॥ .. अथवा तू हमें फ़साता । या गूढ तत्व है कहता । वह समझमें न आता । सोचनेसे ॥'' (ज्ञानेश्वर).

संसारांतले द्वंद्वाचे विकल्पाक लागून मोहांतु पडिले सर्व साधारण जन ज्ञान मनांतले द्वंद्व निवारण करचाक दुसर्यांले व्याख्ये वयर विश्वास दवरनुं देवळाक वचून याचना करताचि, मूर्तीचि पूजा–पाठ, अर्चना–याचना, यज्ञ–याग करताचि. एक देव, एक पूजा–पाठ, अर्चना–याचना, यज्ञ–याग, एक मनुष्यालि व्याख्या समाधान दिले नासल्यार तो दुसरे देव, एक पूजा–पाठ, अर्चना–याचना, यज्ञ–याग, एक मनुष्याले लागिं वता, वचत वचत अखेरीक दिग्मूढ जावनुं संभ्रमांतु पडता. पुण तो केन्नांयि जें प्राप्त जालिलें आसा तें दिलिल्यान देव–देवतेंक प्रार्थनेचे रूपान धन्यवाद दीना, कृतज्ञता, आभार अप्रदर्शित करना किंवा योग्य अधिकारी गुरू लागीं

वचून योग्य माध्यम, योग्य मार्ग प्राप्त करनुं स्वतः श्रवण, चिंतन, मनन, ध्यान धारणा करनुं प्रश्न्यांचे निवारण शोधना.

नर रूपान जन्म घेवनुं पुरातन काळांतु सात्विक गुण स्वभावाक लागून ऋशी तरेन तप करचो जीवाक जें तरेन ज्ञान–विज्ञान प्राप्त केलिलें ते तरेन द्वापर युगांतु अर्जुनाले रूपान क्षात्र गुण स्वभावान जन्म घेतिले जीवाक कृष्णान लोककल्य आनि धर्म रक्षण करचे खातिर रणांगणा वयर दुश्ट प्र्व्टित्तीचे प्रतिस्पर्धी बरोबर युद्ध–कर्म करचें सोडनुं संसारांतु जें आसा, जशें आसा तें तशें पळय नासताना मोहाक लागून जें ना जशें ना तें तशें आसा अशें पळयत गुण स्वभावाचे विपरीत ज्ञानि मनुष्या तरेन तर्क–वितर्क, वाद विवाद करचें पोळोवनुं कृष्ण ताका पयलें कर्मयोगाचो उपदेश केलो. पुण नर रूपान प्राप्त केलिलें तरियी सुप्तावस्थेंतु आशिल्लें ज्ञान–विज्ञान लक्ष्यांतु घेवनुं आतां सांख्य योगाचें अध्यात्मिक स्वरूप आनि रहस्य विस्तारान निरूपण करचाक प्रयत्न करता.

कृष्ण जगद्गुरु आशिल्यान अर्जुनाले मनांतलो कोलाहल तोजाणता. पुण कोलाहल अर्जुनाक सोडोवचो आसता, कृष्णाक न्हंय. कृष्ण मार्ग दाखयता, मार्ग अर्जुनाक चलचो आसता. कृष्ण सांगता किं लक्ष्य स्पश्ट आनि निश्चित आसल्यारियी प्रत्येक मनुष्याक आपण्याले इच्छेक लागून न्हंय तर आपण्याले गुण स्वभावाक लागून शोधचो आनि स्वीकारचो आसता. देकून पुरातन काळापासून सत्य एकचि आसल्यारियी सत्याचे दिशा दाखोवचे विकल्प – मनन, चिंतन करनुं ज्ञानाचो सांख्ययोग आनि शरीरान जप–तप करनुं साधचो कर्मयोग हे दोन प्रमुख मार्ग प्राप्त करनुं दिलिले आसाचि – ‘‘लोकेऽस्मिन् द्विविधा निष्ठा पुरा प्रोक्ता मयाऽनघ । ज्ञानयोगेन सांख्यानां कर्म योगेन योगिनाम् ॥’’. पुण मार्ग वेग–वेगळे आसाचि म्हण्णु मार्गावयर पडचो प्रकाश वेग–वेगळो आसता म्हण्णुं न्हंत, जे तरेन प्रज्वलित करचे दिवल्यो वेग–वेगळे आसल्यारियी प्रज्वलित जावचे दिव्याचि ज्योत एकचि आसून खंयचेयि दिवलि प्रज्वलित केलि तरियी ते प्रकाशांतु काळोख नाश जावनुं सर्व द्रिश्टीक पडता. किंबहुना सांख्ययोग किंवा कर्मयोगाचे वेग–वेगळे माध्यम, मार्ग स्वीकारल्यारियी जें ज्ञान–विज्ञान प्राप्त जावचें अपेक्षित आसता तें एकचि स्रोतांतल्यान प्रकाशित जाता. जें सांख्य ज्ञानान जोडचांतु येता तेंचि कर्म करनुं साधचांतु येता.

देकून अर्जुनान आपण्याले क्षत्र गुण स्वभावाक लागून प्राप्त जालिलें कर्म करचे पासून परावृत जाय नासताना ते कर्मा पासून प्राप्त जावचे आसक्ती पासून परावृत्त जावचें जास्त श्रेयस्कर आसता म्हण्णुं कृष्ण सांगता – ‘‘न कर्मणामनारंभान्नैष्कर्म्यं पिरुषोऽश्नुते । न च संन्यसनादेव सिद्धिं समाधिगच्छति ॥’’.

वास्तविक स्रिश्टींतु असलो एक जीव सुद्धां आसचो ना जो कर्म केले शिवाय असूं शकता – ‘‘न हि कश्चित् क्षणमपि जातु तिष्ठत्यकर्मकृत् । कार्यते ह्यवशः कर्म प्रकृतिजैर्गुणैः ॥’’. एक कर्म करचें बंद केल्यार दुसरें क्षण दुसरे कर्म सुरु जाता. संसारांतु स्वाभाविक प्रकृतीचे नियमांक लागून मनुष्यान करचे सर्व कर्म, श्वास घेवचें–सोडचें, पोळोवचें, आयकुवचें, उठचें, बसचें, निदचें, जेवचें, विचार करचें हें सर्व कर्मचि आसता. मनुष्याक कर्म करचे खातिर कसलेयि धारणा मनांतु धरचि आवश्यकता ना. जें कर्म भायर इंद्रियांचे मुखांतर करचांतु येता तें दिसता, जें कर्म मनान भितरल्यान जायत आसता तें दीसना. केलिलें कर्म दीसना म्हण्णुं तो कर्म करना म्हण्णुं समजचें चूकीचें आसता. कर्म बदलचें, कर्म बंद करचेंबी कर्माचि एक प्रक्रिया जावनुं आसता. कर्म करचें बंद जालिल्यान, कर्म करचि रीत बदलिल्यान केलिले कर्माचि प्रक्रिया बंद जायना, केलिले कर्माचे फ़ल प्राप्त जाले शिवाय उरचें ना. अर्जुनाक मोहाक लागून दिसता किं जर ताणें आपण्याले आप्त–बांधवांक, सगे–सोयर्यांक मारले ना तर तागेले हातांतल्यान ते कर्मचें दायित्व घेवचें आवश्यक ना.‘‘सुनना छोडेंगे क्या कान । देखना छोडेंगे नयन । सूंघना भूलेगा क्या घ्राण । गंध जो ॥ अथवा प्राणापानकि गति । निर्विकल्प बमेगी क्या मति । तथा क्षुधा–तृषादिकृति । मिटेगी क्या ॥ .. यह सब नहीं रुकता । इसीलिल्येकर्म तहता । कर्म का त्याग नही होता । देह धारिका ॥’’ (ज्ञानेश्वर).

संसारांतु जीवन जितलें कर्माचे वास्तविक सत्य आसता तितलेंचि मरण कर्माचे वास्तविक सत्य आसता. जिवनाचे सुरवातीचो क्षण जर जन्माक लागून जाता तर जिवनाचो अंतिम क्षण मरणाक लागून निर्धारित जाता. भौतिक पातळीवयर केलिले सर्व विचार आनि केलिलो कर्माक लागून संसाराचें अभिव्यक्त रूप निश्चित जाता तर अध्यात्मिक पातळीवयर लोक कल्याणाखातिर केलिलें कर्म, परमात्माक उद्देशून केलिलि पूजा–पाठ, अर्चना, याचना, मनन, चिंतन, ध्यान धारणा परमात्माक समर्पित जालिलें यज्ञकर्म जावनुं भौतिक संसाराक पूर्णत्व प्राप्त जाता. देकून कृष्ण अर्जुनाक सांगता किं संसार सुरु जावनुं अंत जावचे अंतराळांतु मनुष्याले हातांतल्यान अनासक्त भावनेन आपण्याक प्राप्त जालिलो गुण स्वभावक आनि ऋतु आनि धर्म नियमांक अनुसरून जितलें कर्म करचें शक्य आसता तितलें परामात्मालो माध्यम रूपान स्रिश्टि संतुलित आनि नियंत्रणेंतु दवरचे खातिर कर्म करचें अपेक्षित आसता. तशें केलिल्यान तो मनुष्य परमात्माले देवता कार्यांतु सहभाग जावनुं ऊर्ध्वगतीक वता; जो ते तरेन करत नासताना फ़लाचे इच्छेन अहंकार आनि इंद्रियांचे वासनेक लागून करता तो मनुष्य परमात्माले देवता कार्यांतु अडथळे हाडनुं अधोगतीक वता – ''कर्मेंद्रियाणि संयम्य य आस्ते मनसा स्मरन् । इंद्रियार्थान्विमूढात्मा मिथ्याचारः स उच्यते ॥ यस्त्विंद्रियाणि मनसा नियम्यारमतेऽर्जुन । कर्मेंद्रियैः कमयोगसमसक्तः सविशिष्यते ॥''.

कृष्ण अर्जुनाक आग्रहान सांगता किं मनुष्यान नित्य निरंतर हे तरेन परमात्माले देवता कार्यंतु सहभाग जावनुं कर्म करका कारण तें कर्म करता नासताना आसचे पेक्षा श्रेष्ठ आसता – ''नियतं कुरु कर्म त्वं कर्म ज्यायो ह्यकर्मणः । शरीरयात्रापि च ते न प्रसिध्येदकर्मणः ॥''. कांयी करत नासताना बसचें म्हळयार अकर्म न्हंय. अकर्मान सिद्धी प्राप्त जायत आसल्यार आळशी मनुष्याकबी सिद्धी प्राप्त जायत आशिल्ली. अकर्म म्हळयार निष्क्रिय कर्म न्हंय. अकर्म म्हळ्यार कर्माचो अभाव न्हंय, तरकर्म करतल्याक अपूण कर्म करता ही जाणीव जाका लागून कर्म करतल्यालो अभाव आसता. देकून उपनिषदांतु याज्ञवल्क्य ऋशी सांगता किं संसारांतले सर्व विषयां खातीर सर्व प्रिय आसना तर स्वतःचे आत्माचे खातीर सर्व प्रिय आसता – ''न वा अरे सर्वस्य कामाय सर्वं प्रियं भवति, आत्मनस्तु कामाय सर्वं प्रियं भवति ॥''. संसारांतु 'आत्मानस्तु कामाय' हाजो अर्थ स्वतःचे मन, बुद्धि आनि अहंकार लागून इंद्रियान विषयासक्त जावनुं स्थूल शरीराचे स्वार्था खातिर कर्म करचें म्हण्णुं न्हंय. वास्तव्यांतु मनुष्य आपण्याले शरीरांतु आशिल्ले आत्माक आकार दीवनुं शरीर म्हळयार आत्माचो माध्यम म्हण्णुं न्हंय तर आकार म्हण्णुं समजत आसता. ताज्जे विपरीत आत्मा म्हळयार शरीरांतु भितर अंशरूपान आशिल्लें परमात्माले चैतन्य जाका आकार ना, रूप ना.

ध्यानांतु आसचाक जाय किं जे तरेन प्रकाश बल्ब दीना तर बल्बाक माध्यम करनुं विद्युत शक्ति प्रकाश दिता ते तरेन कर्म स्थूल शरीर करना तर शरीराक माध्यम करनुं शरीरांतु आशिल्लो आत्माचि चैतन्यशक्ति कर्म करनुं घेता. देकून मनुष्याले लक्ष्य कर्म कोण करता, केलिलें किंवा करचे कर्माचें न्हंय तर कर्म खंयचे उद्देशान, खंयचे तरेन आनि कोणाले खातिर करचांतु येता, हें महत्वाचें आसता. कारण देवताकार्यांतु सहभाग जावचे उद्देशान, करचें कर्म यज्ञकर्म म्हण्णुं, भितर आशिल्ले चैतन्य, परमात्मालो अंशरूपान आशिल्ले आत्मा खातिर केलिलें कर्म परमात्माक समर्पित जायत आशिल्यान तें कर्म बंधनकारक आसचें ना, देकून श्रेष्ठ आसता. पुण अहंकार लागून स्वतःचे स्थूल शरीराचे स्वार्थ–सुखा खातिर केलिलें, करचे कर्म बंधनकारक आसत, देकून श्रेष्ठ आसना.

स्रिश्टींतु बिंबरूपान स्वयंप्रकाशित अव्याकृत, अज्ञात, सत्यस्वरूप परमात्मा व्यतिरिक्त विंगड कांयी आसना आनि जें कांय ज्ञात जावचे खातिर स्रिश्टींतु अनेक स्थूल सविकार अविष्कार रूप–आकारान प्रतिबिंबित जावनुं आसताचि – ''रूपं रूपं प्रतिरूपो बभूव तदस्य रूपं प्रतिचक्षणाय ॥'' ते सर्व रूप आकारांतु परमात्मालेंचि नाम–तत्व प्रस्थापित जालिलें आसता. देकून याज्ञवल्क्य ऋशी गार्गीक सांगता किं आक्षर ब्रह्म दीसचाक येना पुण सगळें पळयता, अयकुवचांतु येना पुण सगळें आयकता, विचार करचांतु येना पुण सर्व

विचार करता, जाणचांतु येना पुण सर्व जाणता. ताज्जो शिवाय कोणियि अन्य पळयतालो नांचि, कोणियि अन्य आयकतालो नांचि, कोणियि अन्य विचार करतालो नांचि, कोणियी अन्य जाणतालो नांचि.

व्याकृत जालिलो स्रिश्टींतु, सर्व रूपांतु, सर्वांक कवटाळनु परमात्मा व्यापून आशिल्यान आनि ताणें आवरण करनुं नाशिल्लें अन्य कांयी नाशिल्यान तो परमात्मा पुरुष म्हण्णुं ओळखुवचांतु येता – "स वा अयं पुरुषः सर्वासु पुर्षु पुरीशयः । नैनेन किम्चनानावृतम्, नैनेन किंचना संवृतम् ॥". देकून अव्याकृत परमात्मा, परमात्मान नाम–रूपान अव्याकृत केलिलि स्रिश्टि आनि व्याकृत जावचि प्रक्रिया एकचि आसा, जे तरेन कर्म करतालो, प्रत्ययांतु येवचें कर्म आनि कर्माचि प्रक्रिया हे तिन्निंयी एकचि आसताचि. जें भूत काळांतु अस्तित्वांतु आशिल्लें, वर्तमान काळांतु आसता आनि भविष्य काळांतु आसतालें तें सर्व परमात्माक लागून आसता शिवाय अन्य कार्णांक लागून न्हंय. जे तरेन गायीलो शोध गायीले पायाचे चिन्हां वयल्यान घेवचो आसता ते तरेन अव्याकृत परमात्मालो शोध स्रिश्टींतलो परमात्माले व्याकृत जालिले वस्तु–पदार्थां वयल्यान घेवचो आसता – "तदेतत्पदनीयमस्य सर्वस्य यदयात्मा, अनेन ह्येतत्सर्वं वेद ।". परब्रह्मालो स्थायी भाव मनुष्य आपण्याले शरीरांतु आशिल्लो चैतन्याचे मुखांतर अनुभवता. जें स्थूल अवयवांक लागून दिसता तें सिमीत आसता, जें साक्षात्काराक लागून अनुभवचांतु येता तें असीमित आसता. आकाशांतलो सूर्याले तेजःपुंज किरणांक लागून सूर्यनारायणालें सत्यस्वरूप पोळोवचाक जायना, उदाक माध्यम करनुं तें प्रतिबिंब रूपान पोळोवचें पडता. जरी म्हणचांतु येता किं सूर्यालिं किरणं दिसताचि म्हण्णुं सूर्य दिसता हें सत्य न्हंय. सूर्याले किरणांचे प्रकाशांतु वस्तु पदार्थ दिसताचि म्हण्णुं सूर्यालें अस्तित्व जाणवता. तेचि तरेन परमात्मालो रूपमैश्वर्याचे प्रकाशांतु परमात्मालें अस्तित्व जाणचाक येना, देकून मनुष्य स्रिश्टींतलो व्याकृत जालिले वस्तु–पदार्थांतु परमात्मालें अस्तित्व जाणवता. भूत–वर्तमान–भविष्य काळांतले अस्तित्व भौतिक दोळ्यांक माध्यम करनुं दिसचे संभव ना, दिसना. पुण साक्षात्कारान काळातीता जाअलिलो ऋशीक भूत–वर्तमान–भविष्य काळांतु जालिलें, जावचें सर्व ज्ञात जायत आसल्यारियी स्रिश्टी सुरळित चलोंवचें उत्तर दायित्व केवल परमात्माक आनि अंश रूप जावनुं आशिल्लो सर्व जीवांलें आसता.

सामान्य मनुष्य जाणना जें तागेलागिं आसा, जें ना. जें ताका जाय, जें नाका. कितें ताका मेळिलें ना, कितें मेळिलें ना. तो चलत आसता, चलचांतु गति आसा, प्रगति न्हंय. तेल काडताना बैल गोल गोल फ़िरत आसता ते तरेन मनुष्य संसारांतु फ़िरत आसता. फ़िरचें बंद करनु सुस्त बसचाक तो आतुर आसता, पुण फ़िरचें बंद कशें करचें हें तो जाणना. सर्व सामान्य मनुष्य फ़लाचि इच्छा, कामना आकांक्षा, अपेक्षा पयलें इंद्रियांचे प्रभावाक लागून आनि फ़लाचे आकर्षणेन आपण्याले गुण स्वभावाक विपरीत कर्म करचाक प्रवृत्त जाता. तागेले जीवनांतु सदा संघर्ष आसता, चैतन्य न्हंय, कारण ताका लक्ष्य स्पश्ट ना. ज्ञान–विज्ञान मेळिल्यान ताका सर्व जाणचांतु येता, ज्ञान–विज्ञान मेळिल्यान सर्व मेळिलो आनंद अनि समाधान मेळता. पुण तें प्राप्त करचाक तो प्रयत्न करना हे तागेलें दुर्भाग्य.

सर्व सामान्य संसारांतु प्रत्यक्ष दिसचांतु येवचो शरिराचे स्थूल आकार बरोबर संबंध बांदचांतु येत आसता शिवाय ते आकारांतु आशिल्लो सूक्ष्न चैतन्याक लागून न्हंय. देकून भौतिक पातळीवयर दिसचांतु येवचो स्वतःचे आनि आप्त–बांधवाले शरिराचे स्थूल आकाराचे सुख समाधाना खातिर कर्म करचांतु येता शिवाय ते आकारांतु आशिल्लो सूक्ष्म चैतन्याचे सुख समाधाना खातिर न्हंय. कृष्ण सांगता किं स्वतःचे आनि आप्त–बांधवाले शरिराचे स्थूल आकाराचे सुख समाधाना खातिर केलिलो कर्माचें फ़ल सिमीत आसता; आकारांतु आशिल्लो सूक्ष्म चैतन्याचे सुख समाधानान प्राप्त जावचें फ़ल व्यापक आसता. देकून कृष्ण अर्जुनाले मुखार एक प्रस्ताव दवरता. मनांतु जर कसलेयी इच्छा, कामना किंवा आसक्ति दवरत नासताना मनुष्यान परमात्मालें माध्यम म्हण्णुं आपण्याले स्वधर्माकाक लागून केलिलें स्वकर्म लोक कल्याणा खातिर केलें तर तें यज्ञकर्मांतु रूपांतर जातालें. असलें कर्म केलिल्यान तो संसार बंधनांतल्यान मुक्त जातालो, अन्य कर्म स्वतःचे सुखाकातिर

केलिल्यान बंधनकारक जातालें – ''यज्ञार्थात्कर्मणोऽन्यत्र लोकोऽयं कर्मबंधः । तदर्थं कर्म कौंतेय मुक्तसंग समाचर ॥''. देकून मनुष्याक कर्म करचें सामर्थ्य आनि आधिकार असल्यारियी फ़लाचि अपेक्षा करचि न्हंय, जाका लागून तें 'यज्ञार्थ कर्म' श्री विष्णूलें प्रीत्यर्थ कर्म केल्लिल्यान कर्म फ़लाचे स्वामित्व परमात्माक आनि प्रसाद रूपान प्राप्त जावचो अधिकार मनुष्यालो आसतालो.

स्रिश्टी निर्मिती नंतर जो यज्ञकर्म करचांतु आयलो – ''यज्ञेन यज्ञं यजयंत देवाः देवास्तानि धर्माणि प्रथमान्यासन् । ते ह नाकं महिमानः सचंत यत्र पूर्वे साध्याः संति देवाः ॥'' तेन्ना प्रजापतीक यज्ञा खातीर विंगड कांयी साहित्य – सामग्री मेळिलें नाशिल्यान ताणें आवश्यक वस्तु ते परम पुरुषाले अवयवांतल्यान एकत्रित केलें आनि ते वापरनुं यज्ञ पूर्ण केलो – ''तं यज्ञं बर्हिर्षि प्रोक्षन् पूरुषं जातमग्रतः । तेन देवा अयजंत साध्या ऋषयश्च ये ॥'' म्हण्णुं ऋग्वेदांतु आनि ''इति संभृतसंभारः पुरुषवयवईर्मन् । पुरुषवयवैरेते सम्भारः संभूता मया ॥'' म्हण्णुं भागवत पुराणांतु सांगचांतु आयल्यां.

कृष्णान यज्ञाचि परिभाशा नवीन तरेन्न व्यापाक द्रिश्टीन केलिलि आसा. यज्ञ म्हळायार यज्ञकुंडांतले भगभगचे अग्नींतु तूप, फ़ल, फ़ूल, धन–धान्य आनि द्रव्य सामग्रि घालनुं करचि क्रिया न्हंय तर संसारांतु प्राप्त जालिलें सर्व ज्ञान–विद्या, शक्ति–सामर्थ्य, धन–संपत्ती, सेवा–समर्पण आपण्याले ज्ञान–विद्या, शक्ति–सामर्थ्य, धन–संपत्ती, सेवा–समर्पण आहुती रूपान आपण्याले गुण स्वभावाक अनुरूप भितर वैश्वानर अग्नि रूपान आशिल्ले परमात्माक केलिलें आनि करचें कर्म समर्पण प्रक्रिया जावनुं आसा. यज्ञ म्हळयार विंगड कांयि नासताना परमात्मान स्रिश्टींतले प्रत्येक घटक, जन–जनांवर, जीव–जंतु, निसर्गांतले नदी–पर्वत, झाड–वनस्पति, जल–वायु–शब्द सर्वांनि आप–आपण्याले शक्त्यानुसार कर्म करचाक घालनुं दिलिली कार्य पद्धति. दर एक मनुष्याक आप–आपण्यालो धर्म–संप्रदाय, देव–वेद आसता, मंत्र–तंत्र आसता, गुण, स्वभाव, संस्कार आसता. देकून ते सर्वांतु समन्वय हाडचाक यज्ञसंस्था प्रजापतीन प्रस्थापित केलि आनि तांतूत धर्म आनि ऋतु यम–नियम निश्चित केलिं – ''सहयज्ञाः प्रजाः सृष्ट्वा पुरोवाच प्रजापतिः । अनेन प्रसविष्यध्वमेष योऽस्त्विष्टकामधुक् ॥'' म्हण्णुं कृष्ण सांगता. यज्ञ म्हळयार मनुष्यान देवताकार्यांतु सहभाग जावनुं परमात्मालें माध्यम म्हण्णुं करचें कर्म आसता. देकून मनुष्याक संन्यासी तरेन मुंडन आनि काशाय वस्त्र धारण करनुं रानावनांतु वास्तव्य करनुं यज्ञकर्म करचें आवश्यक ना; संसारांतु आसून करचें आनि केलिलें कर्म परमात्मालें माध्यम म्हण्णुं आपण्यालें गुण स्वभावाक लागून कर्म केल्यार तें यज्ञकर्म म्हण्णुं परिवर्तन जातालें.

किंबहुना परमात्माक शरण गेलिल्यान जें कर्म मनुष्य करता म्हण्णुं समजता ते कर्म परमात्मा ताका निमित्तमात्र करनुं तागेले हातांतल्यान तें कर्म करोवनुं घेता म्हण्णुं समजका. जेन्नां मनुष्याक ज्ञान–विज्ञान प्राप्त जाता तेन्नां कोण कोणांक सृजन करता, कोण कोणां कडचान सृजन जाता, कोण कर्म करता, कोण कोणां कडचान कर्म करनुं घेता हे सर्व प्रश्ने क्षुल्लक जाताचि. वास्तविक संसारांतले सर्व कर्म कोणां कडचान सृजन जाताचि, कोणांकडचान कर्म करनुं घेवचांतु येता हे गूढ अरहस्य आसनासताना परमात्माले अंश रूपान आशिल्लो आत्माका लगून सृजन जाताचि, करचांतु येताचि हांतु दोन मत आसचे नांचि. ताजें विपरीत संसारांतले सर्व कर्म आसक्तीन भरिले आशिल्यान ते सर्व बंधनकारक आसताचि. पुण आपूण कर्म करतां ही भावना मनांतल्यान पूर्ण विसर्जन करनुं कर्म यज्ञ–कर्म म्हण्णुं केल्यार तागेलें विभक्त अस्तित्व परमात्मांतु संलग्न आनि सभक्त जावनुं मनुष्य संसार बंधनांतल्यान मुक्त जातालो, हांतूत संशय आसचो ना.

जेन्नां मनुष्य आपण्यालें कार्य धर्माचे यम नियमांक अनुसरून करता तेन्नां तें परमात्माक मान्य आसून निश्चितरूपान परमात्माले चरणांतु समर्पित जातालें. आनि अंतःकरणांतु आशिल्लो परमात्मा प्रत्येक जीवाचे हृदयांतु जावचे स्पंदन निश्चित रूपान जाणत आशिल्यान प्रतिरूपान तो तांका आपण्यालो कृपा प्रसाद प्राप्त करनुं दिता – ''देवान् भावयताऽनेन ते देवा भावयंयु वः । परस्परं भावयंतः श्रेयः परमवाप्यसथ ॥'' म्हण्णुं कृष्ण सांगता. देवाले घरांतु काळोख ना. देवांले द्वार सदा उघड आसा. देवाले घरांतु न्याय आसा. जें दिवचाक जाय,

तें दिवचांतु येता, तें योग्यचि आसता. जें मेळचाक जाय तेंचि मेळता, तें योग्यचि आसता. जें जावचाक जाय तेंचि जायत आसा, तें योग्यचि आसता.

पुण सर्व साधारण मनुष्य परमात्मान जें दिल्यां तें स्वीकारनुं समाधान पावना. तो समजता किं मागिल्लें शिवाय कांयि मेळचें ना म्हण्णुं मागत आसता. तो मागचाक देवळाक वता, पूजा–पाठ, जप–तप, अर्चना–याचना करता. जें मनुष्य मागता तें ताका मेळना. पुण याचना म्हळयार प्रार्थना न्हंय. कारण तागेली याचना जें मेळिलें ना तें मेळोवचाक आसता. याचना म्हळयार प्रार्थना न्हंय. प्रार्थना म्हळयार जें मागिल्लें शिवाय दिलिलें आसा, मागिल्ले शिवाय दिवचांतु येता, जें प्राप्त जालिलें आसा ताका लागून धन्यवाद, कृतज्ञता, आभार प्रदर्शन करचें खातिर न्हंय. कृष्णाले वचनांचे विपरीत जर मनुष्य कर्म करनुं कर्म फ़ल स्वतः खातिर घेता तर तो चोर आसता – ''इश्टान् भोगान् हि वो देवा दास्यंते यज्ञभाविताः । तैर्दतानप्रदायैभ्यो यो भुंक्ते स्टेन एव ॥''. पुण जो कोण यज्ञकर्म करनुं जें देवांक दिवचें आसा, जें जनांक दिवचें आसा तें दीवनुं उरिलें स्वतः खातिर दवरनुं भोगता तो सर्व पापांतल्यान मुक्त जाता.

कृष्ण स्रिश्टींतु सतत फ़िरत आसचे संसारचक्राचे वर्णन – ''अन्नाद्भवति भूतानि पर्जन्यासान्नंभवः । यज्ञाद्बवति पर्जन्यो यज्ञः कर्मसमुद्भवः ॥ कर्म ब्रह्मोद्भवं विद्धि ब्रह्माक्षरसमुद्भवम् । तस्मात्सर्वगतं ब्रह्म नित्यं यज्ञे प्रतिष्ठितम् ॥'' म्हण्णुं करनुं यज्ञ आनि कर्म मदलो लागींचो संबंध दाखयता. 'कर्म ब्रह्मोद्भवं' म्हळयार कर्माचि प्रक्रिया परमात्मान घालनुं दिलिले ऋतु नियमांक आनि 'ब्रह्माक्षरसमुद्भवम्' अव्याकृत, अक्षर, अव्यय परमात्मा पासून लागून निश्चित जाता.

देकून केलिले सर्व कर्म सर्वव्यापी परब्रह्म परमात्मा निवास करनुं आशिल्यान जीवनांतु जें प्राप्त जाता तें परमात्माले अनुग्रहाक लागून परमात्मालो प्रसादरूपान प्राप्त जालिलें आसा, मनुष्याले प्रयत्नाक लागून न्हंय. कार्य करचें हे मनुष्यालें कर्तव्य आनि अधिकार आसता, फ़लाचि अपेक्षा करचे अनावश्यक आनि अनधिकृत आसता. यज्ञरूपी कर्म केलिल्यान परमात्मा सहर्ष जावनुं मनुष्याले मनांतु जें आसा तें मागिल्ले शिवाय दिता. बायलेले आग्रहाक लागून धन–ऐश्वर्य मागचाक गेलिले सुदामाक कृष्ण ताणें मागिले शिवाय ताका सर्व कांय दिलें.

देव जाणता भक्ताक जें जावका, तें. स्रिश्टींतु कारणा शिवाय कांयि घडना. जें घडता, जें घडचांतु येना, जगांतु परत परत घडचे वातावरणांतले बदल, वादळ, भूकंप, ज्वालामुखी तें सर्व मनुष्यान अज्ञान, अहंकार, आनि इंद्रियसुख आनि स्वार्था खातीर परमात्मान प्रस्थापित केलिले धर्म आनि ऋतु यम–नियमांचे उल्लंघन केलिले कर्मांचे परिणाम जावनुं आसाचि. मनुष्याले अज्ञान आनि मनांतले अस्वस्थ, अशांत, असुसंगत, अनियंत्रित अक्रोश असलेविपरीत कर्मांक लागून निर्माण जालिले आसताचि, शिवाय परमात्माले क्रोशाक लागून न्हंय. देकून शास्त्र संमत यम–नियमांक अनुसरून जीवन जगलें नासल्यार मनुष्य इंद्रियांचि उपभोग घेत व्यर्थ जीवन जगत आसतालो –''एवं प्रवर्तितं चक्रं नानुवर्तयतीह यः । अघायुरिंद्रियारामो मोघं पार्थ स जीवति ॥''. ''न करना अनुष्ठान । न यात्रादि तीर्थस्थान । और अन्य देह दंडन । करना नही ॥ म करे योगादि साधन । तथा सकाम आराधन । मंत्र तंत्र आदि विधान । अनावश्यक ॥ देवताओंका पूजन । सर्वथा ही वर्ज मान । करो स्वधर्माचरण । अनायास ॥ सदा अहेतुक भावसे । पतिव्रता जैसे पतीसे । अनुसरना तुम वैसे । स्वधर्मको ॥'' (ज्ञानेश्वर).

जो मनुष्य आपण्याले अंतरंगांतु अंश रूपान आशिल्ले परमात्माले सृजन शक्तींतु रमता, संतुश्ट आसता, तृप्त आसता ताका वेगळें कांयि करचें अपेक्शित किंवा आवश्यक आसना. मनुष्याक केवल कर्म करचो अधिकार आसता, ते कर्मांतल्यान मेळचे फ़ळाचो न्हंय म्हण्णुं ताणें मान्य केलिलें आशिल्यान ताका कर्म केलिल्यान किंवा कर्म केलिले नाशिल्यान कांयि प्राप्त जावचें किंवा अप्राप्त जावचें आसना. तागेले अभिवृद्धी खातिर ताका कोणांलोयि आधार किंवा निर्भर आसचें आवश्यक ना. केलिलें कर्म आपण्यान केलिलें आसा

म्हण्णुं अभिमान ना, कारण तो जाणता किं परमात्माले इच्छे शिवाय कांयि घडना, घडचें ना, एक पान सुद्धां हालचें न तेन्नां फ़ल पडचि अपेक्षा कित्याक करचि ? संसारांतु कितें मेळ्ळें आनि कितें मेळ्ळें ना असलो स्वार्थ विचार सोडनुं आपूण खंयचे तरेन कर्म करत परमात्मांतु संलग्न जातालो हो विचार करचाक जाय. जो हे तरेन विचार करनुं कार्यरत आसता तागेलें कर्म लोक हिता खातिर नि:संशय आसतालें – "यस्त्वात्मरतिरेव स्यादात्मतृप्तश्च मानवः । आत्मान्येव च संतुश्टस्तस्य कार्यं न विद्यते ॥ नैव तस्य कृतेनार्थो नाकृतेनेह कश्चन । न चास्य सर्वभूतेषु कश्चिदर्थव्यपाश्रयः ॥".

महभारतांतु एक रूपक वापरनुं व्यासांनि परमात्माले स्रिश्टींतु जावचे अवतरणाचे विशय उल्लेख केलिलो आसा. वेदांतले ज्ञान–विज्ञानान प्रभावित जाय नासताना इंद्रियंचे प्रभावान उन्मत्त जालिले असुरांले संकट भोगचाक असहाय जालिले पृथवीक श्री विष्णून कृष्णाले स्थूल प्राकृतिक शरीर आधार आनि पांडव आनि कौरवांक माध्यम आनि थंय अंश रूपान प्रस्थापित आपण्याले व्यापक असामान्य चैतन्यशक्ति सृजन करनुं असुरांले निर्मूलन आनि साधूलें संरक्षण, अधर्माचो नाश आनि धर्म परत प्रस्थापित करचें आश्वासन दिलिलें आसता. हें सर्व जन जाणनांचि. पुण मिथिलेचो नरेश राजा जनक आनि अन्य महामानवांले तरेन जे जाणताचि ते लोक संग्रहा खातिर कर्म करनुं आपण्याले जीवन सार्थक करत आसताचि. कृष्ण देवकीपुत्र म्हण्णुं जन्माक आयिलो तरियी ऋशि घोर अंगीरसाले "अक्षितमसि, अच्युतमसि, प्राणसंशितमसि" हे शिखवणीक लागून आपुण 'आहं ब्रह्मास्मि' हें पूर्णतरेन जाणून मनुष्य जन्माचे प्रकृति–जन्य गुण–स्वभावाचे पेलतडेन आसून सर्व बंधनांतल्यान मुक्त जालिलो महामानव, पुरुषोत्तम म्हण्णुं तीन लोकांतु प्रख्यात जालिलो आशिल्लो. देकून परमात्माले विश्वयज्ञांतु जे तरेन कृष्ण एक महत्वाचो व्यापक आनि सर्वांगी भूमीका आचरणेंतु हाडता ते तरेन सर्वांक एक निमित्तजावनुं हे व्यापक आनि विराट देवताकार्यांतु सहभाग जावनुं तें पूर्ण करचें अपेक्षित आसता.

किंबहुना स्रिश्टि निर्माण जाले नंतर स्रिश्टीचें संरक्षण करचें जितलें परमात्माक आसता तितलेंचि स्रिश्टींतु निर्माण जालिले प्रत्येक घटकांक ते देवता कार्यांतु सहभाग जावचें अपेक्षित आसता. स्वतः खातीर जो कर्म करता तें कर्म पर्याप्त आसना, तें पर्याप्त तेन्नांचि जातालें जेन्नां ते कर्माचें लक्ष्य लोककल्याणा खातिर यज्ञ–कर्म म्हण्णुं आसतालें. वास्तवांतु जे तरेन श्रेष्ठ मनुष्यालि वागणूक आसता ते तरेन जन सामान्यांलि वागणूक आसता. परमात्माक स्रिश्टींतु परत अवतरनुं स्रश्टीचे संरक्षण करचांतु तागेले वैयक्तिक असले कसलेंयि कर्म करचे किंवा जें प्राप्त ना तें प्राप्त करचे आसना – "न मे पार्थास्ति कर्तव्यं त्रिषु लोकेषु किंचन । नानावाप्तमवाप्तव्यं वर्त एव च कर्मणि ॥". पुण जर ताणें कर्म केलें ना तर समाजांतले अन्य जन सुद्धां कर्म करत नासातना उरतले आनि स्रिश्टीचो विनाश शीघ्र संभवतालो – "यदि ह्यहं न वर्तेयं जातु कर्मण्यतंद्रितः । मम वर्त्मानुवर्तंते मनुष्याः पार्थ सर्वशः ॥". केलिल्यान ताका कांयी मेळोवचें नासल्यारियी तो जें करचाक जाय, तें तो करतालो, करत आसतालो. जो मनुष्य जें कर्म करचाक जाय तें कर्म अनासक्त भावनेन करता तो तशें कर्म करनुं परमात्मालें परम पद प्राप्त करता. पुण जगांतु दिसून येता किं जे तरेन प्रतिष्ठित मनुष्य वागताचि ते तरेन सामन्य मनुष्य अनुसरण करताचि. प्रतिष्ठित मनुष्यांलि वागणूक अधार्मिक आनि अनैतिक आसता तर जन सामान्यांलि वागणूक सुद्धां अधार्मिक आनि अनैतिक आसतालि. जर अर्जुन रणांगणा वयर येवनुं सुद्धां युद्ध करना म्हणता तर युद्धाक आयिले सर्व शूर वीर सुद्धां युद्ध करना म्हण्णुं अनुसरण करताले. आर्जुना वयर व्होड जवाबदारी घातिल्लि आसा. जर ताणें तागेले तागेलें गुण स्वभाव समजून युद्ध केलें ना, तर सामान्य जन रणभूमीवयल्यान निवृत्त जाताले. तशें जालिल्यान दुश्टांलो वर्चस्व आनि तांगेलो अधार्मिक व्यवहार चलत आसतालो, संसार अंधःकारांतु तळमळतालो.

अज्ञानाक लागून मनुष्य जें समजता किं युद्ध तो करता तें चूकीचें आसता. हें जाणिले नाशिल्यान अर्जुन आपण्याले कर्माचे कर्तुत्व आपूणचि घेवनुं मोहांतु आसता. अर्जुनाक अजून पूर्ण ज्ञान प्राप्त जालिलें ना. मंदिर आजून दूर आसा, ताका मूर्त कशीं दिसातालि ? वास्तवांतु तो युद्ध करना तर परमात्मा ताका माध्यम,

निमित्त करनुं तागेले हातांतल्यान युद्ध करोवनुं घेता. जे तरेन कृष्ण जाणता ते तरेन अर्जुनान आपण्यालें उत्तर दायित्व समजून घेवचाक जाय. तेन्नां तागेले आप्त-बांधव, सगे-सोयरे तागेले हातांतल्यान मरताले म्हण्णुं तो मोहांतु पडचो ना. तागेलो पश्चात्ताप अनावश्यक आशिल्लो कारण अहं भावनेक लागून ताणें विना कारण युद्धाचें आनि परिणामाचें उत्तरदायित्व घेतल्यां. जर अर्जुन मान्य करता किं तो निमित्त मात्र जावनुं युद्ध करत आशिल्यान ते कर्माचे फ़ल तागेलें आसनासताना पूर्ण तरेन परमात्मालेंचि आसतालें. अर्जुन महान् योद्धा रणांगणा वयल्यान युद्ध करत नासताना निवृत्त जालो म्हण्णुं तागेलो उपहास करताले, तागेलि कीर्ति दुखावतालि म्हण्णुं तो निदर्शन करता. देकून युद्ध करचाक तो अर्जुनाक प्रवृत्त करता. देकून स्रिश्टिंतु निर्माण जालिले अनेक स्थूल वस्तु-पदार्थ, जीव-जंतु, जन-जनावरांतु अंशरूपान आशिल्ले नामतत्व सृजन करनुं तो आपण्याले स्रिश्टि नियंत्रणेंतु दवरचें देवताकार्य पूर्ण करचांतु येता. स्रिश्टि निर्मिती एक परिणाम जावनुं आसा, कारण न्हंय. देकून शास्त्र स्रिश्टि निर्मिति परामात्मालि एक लीला म्हण्णुं वर्णन करता. 'लीला' म्हळयार परमात्मालें मनोरंजन न्हंय तर सहज उत्स्फ़ूर्त प्रेरणा, संकल्प जो स्रिश्टी रूपान परिवर्तन जाता. तरियी तागेले अवतार कार्याचो प्राथमिक उद्देश जनसामान्यांक खंयचे तरेन आपण्यालें जीवन जगका हें दाखोवनुं दिवचें आसता.

कर्म दोन तरेचे आसता – एक तें कर्म आसता जें प्रकृति जन्य गुण स्वभाव आनि अहंकाराक लागून केलिलें कर्म आपण्यान केलिलें आसा म्हण्णुं मनुष्य मानता. दुसरें तें कर्म जें मनुष्य आपण्यान केलिलें कर्म न्हंय तर आपण्याक माध्यम करनुं तागेले अंतरंगांतु, अंतरात्मांतु प्रतिष्ठित आशिल्लो परमात्मान करोवनुं घेतिलें कर्म आसता म्हण्णुं मानता. सर्व साधारणत: मनुष्य इंद्रियांक लागून आकर्शित जाता किंवा विकर्शित जाता. देकून तागेलि प्रवृत्ती आसक्त किंवा अनासक्त आसता. देकून जे तरेन अहंकाराचि उपस्थिती अज्ञान आनि कर्म बंधन निर्माण करता ते तरेन अहंकाराचि अनुपस्थिथि ज्ञान आनि कर्म बंधनांतल्यान मनुष्याक मुक्त करता. जो मनुष्य विरक्त आसून आकर्शित आनि विकर्शित अवस्थेंतले द्वंद्व पेलतडेन गेलिल्यान संसारांतले भ्रमांतल्यान मुक्त आसता.

विषयांन आसक्त किंवा अनासक्त आशिल्ले मनुष्याक कर्म करचें आवश्यक आसता. धनान आसल्यार जे तरेन कर्म करचे पडता ते तरेन धनान अनासक्त आसल्यार धनाचो त्याग करचे खातीर सुद्धां कर्म करचें पडता. विषयां पासून अलिप्त आनि पेलतडेनचे विरक्त अवस्थेंतु आशिल्ले मनुष्याक धन कमयताना किंवा धन त्याग करताना कर्म सहज घडत आसता, धन कमयलें म्हण्णुं सुख ना, धन त्याग केलें म्हण्णुं दु:ख ना. कारण तो जाणता जिं सुख जशें येता तशें दु:खबी येता, सुख जशें वता तशें दु:ख सौद्धां वता. देकून कृष्ण सांगता किं जे तरेन विषयासक्त अज्ञानी मनुष्य स्वत: खातिर कर्म करता ते तरेन विशयांचे पेलतडेन गेलिलो ज्ञानी मनुष्य विषयासक्त जाय नासताना अनासक्त भावनेन लोकसंग्रहा खातिर कर्म करत आसता – ''सक्ता: कर्मण्यविद्वांसो यथा कुर्वंति भारत । कुर्याद्विद्वांस्तथाऽसक्तश्चिकीर्षुर्लोकसंग्रहम् ॥''.

अनासक्त मनुष्यलो गुणधर्म, संकल्प समत्वाचे दिशेन झुकत आसताचि. देकून तागेलें मुखार परस्पर विरोधी विकल्प आयल्यार तो एक वा दुसरे विकल्पाचे दिशेन धांवना. परमात्मान जी स्रिश्टी निर्माण केलिलि आसा ती पळयता आनि नियाळून जें करचें आसता तें करता, जें मेळता तें अंतिम अवस्था म्हण्णुं स्वीकारनुं आत्मसात् करता – ''तत्ववित्तु महाबाहो गुणकर्मविभागयो: । गुणा गुणेषु वर्तंते इति मत्वा न सज्जयते ॥''. देकून ज्ञानिं मनुष्यालें मन संभ्रमांतु आसना. जेन्नां कृष्ण हे तरेन उलयता तेन्नां तो परमात्मा परब्रह्म हे धार्मिक पार्श्व भूमीवयल्यान अहंकार शून्य ज्ञानी मनुष्याले तरेन उलयता, अहंकारी अधार्मिक अज्ञानी मनुष्याले तरेन न्हंय. जर मनुष्य अहंकार शून्य ज्ञानी, धार्मिक आसता तर तो बरें-वायट, शुभ-अशुभ, श्रेय-प्रेय असले द्वंद्व विचारान त्रस्त जायना. जर मनुष्य अहंकारी, अज्ञानी, अधार्मिक आसता तर तो बरें-वायट, शुभ-अशुभ, श्रेय-प्रेय असले द्वंद्व विचारांचे संभ्रमांतु घुटमळत आसता. कृष्णालो संदेश धार्मिक आसा, नैतिक न्हंय, जो तन-मनांतु संपूर्ण क्रांति हाडता, नैतिक परिवर्तन मात्र न्हंय.

मनुष्यालो अधिकार केवल इतलोचि आसता किं परमात्मान आपण्याक घालनुं दिलिले नियम पालन करत, करचें कर्म यज्ञ–कर्म म्हण्णुं करनुं केलिलें कर्म अनि कर्माचे फ़लचि अपेक्षा करत नासताना तें सर्व परमात्माक समर्पित करचें आसता. अन्यथा केलिलीं सर्व कर्म निश्चयान बंधनकारक आसतालें – ''यज्ञार्थकर्मणोऽन्यत्र लोकोऽयं कर्मबंधनः । तदर्थं कर्म कौंतेय मुक्तसंगः समाचार ॥''. देकून 'योगस्थ कुरु कर्माणि' – आपण्यालो आत्मा परमात्मांतु संलग्न कर म्हण्णुं कृष्ण सांगता. परमात्मांतु आत्मा संलग्न करचें म्हळयार सत्संग करचो. सत्संग म्हळयार जीवात्मालें अस्तित्व परमात्माले अस्तित्वांतु समावर्तन, विसर्जन करचें आसता. जे क्षण यज्ञ रूपान केलिलें कर्म परमात्माक समर्पण करचांतु येता, तेचि क्षण कर्म तागेलें न्हंय तर परमात्मालें कर्म जाता.

असुर जातीचो हिरण्यकशिपु तप करचाक कैलास पर्वता वयर गेलिले तेन्नां प्रह्लाद गर्भांतु आशिल्लि तागेलि बायल ऋशि मुनींले आश्रमांतु निवास करत आशिल्यान ते पुण्य पवित्र आश्रमाचे प्रभावाक लागून प्रह्लाद आसुर कुळांतु जन्माक अयिलो आसल्यारियी गर्भावस्थेंतु तागेले मनावयर धार्मिक संस्कार जालिल्यान तागेले प्रकृतिजन्य गुण स्वभावा वयर सात्विक गुणांचो प्रभाव आसचें सहज अपेक्षित आसता. देकून आपण्याले कुळाक लागून अपेक्षित आशिल्ले असुर गुणांचे पेलतडेन वचून तो परमात्मालि आराधना करत सर्व कार्य परमात्माक समर्पण करता. देकून हिरण्यकशिपूक वध केले नंतर जेन्नां परमात्मा ताका वर मागचाक सांगता, तेन्नां अत्यंत नम्रतायेन तो निवेदन करता किं आसुर कुळांतु जन्माक आयिले तागेले मन स्वभावतः लोभान प्रभावित जावचें शक्य आशिल्यान परमात्मान वर दिवनुं ताका प्रलोभन दाखोव न्हंय – ''मा मां प्रलोभयोत्पत्य्ऽऽसक्तं कामेषु तैर्वरैः । तत्संगभीतो निर्विण्णो मुमुक्षुस्त्वामुपश्रितः ॥''.

साधारणतः मनुष्य जन्माक अयिले पासून तागेले प्रकृति जन्य गुण स्वभावाक लागून प्रभाअवैत जावनुं कर्म करत आसल्यारियी स्रिश्टींतु अन्य कसलेयि, कोणियीं आसचें संभव नाशिल्यान तो परमात्मालोचि एक अंश म्हण्णुं माननुं तागेले सहज स्वभावाचो अनादर करत किंवा इंद्रियांचे आकर्षणान प्रभावित जाय नासताना सातिविक जनांले प्रभावान कर्म स्वतः खातिर न्हंय तर दुसर्यां खातिर करत द्रिश्टीकोण बदलत, कर्माचें स्वरूप बदलत, कर्माचें कर्तुत्व बदलत उर्ध्वगतीचे दिशेन प्रवास करचो हावेस मनांतु दवरताचि. परमात्माक शरण गेलिल्यान मनुष्यालो अहंभाव नाश जावनुं ताणीं केलिले कर्माचें श्रेय परमात्माक दिलिल्यान तें कर्म तांका बंधनकारक जावचें ना. असले अंधःकारंतल्यान जागे जालिले जनांलो प्रवास पावूल पावलान परमात्मालो माध्यम रूपान असत्यांतल्यान सत्याचे दिशेन आसतालो. ताका लागून केलिलें कर्म आनि कर्माचें फ़ल परमात्माक समर्पित जालिल्यान केलिले कर्माचें उत्तरदायित्व परमात्मालें जातालें – ''मयि सर्वाणि कर्माणि संन्यस्याध्यात्मचेतसा । निराशीनिर्ममो भूत्वा युध्यस्व विगतज्वरः ॥''.

अर्जुनान कृष्णाक गुरुसमान मानिलें योग्यचि आसा. कृष्णानबी गुरूलि भूमिका स्वीकारनुं तगेले इच्छेक मान दिलिलो आसा. गुरूक आपण्यालो सिद्धांत मांडचो ना, सिद्धांत सिद्ध करचो ना, ताजो प्रचार करचो ना किंवा आज्ञा करचि ना. जे तरेन गुरु मार्ग दाखयता आनि मार्ग शिष्यान चलचो आसता, ते तरेन कृष्ण आपण्यालें मत ''ये मे मतमिदं नित्यमनुतिष्ठंति मानवाः । श्रद्धावंतोऽनसूयंतो मुच्यंते तेऽपि कर्मभिः ॥'' सांगून वाट दाखयता. 'श्रद्धावंतोऽनसूयंतो' – अर्जुनान अविश्वास दाखय नासताना, तिरस्कार करत नासताना, अदृष्य शक्ति वयर अंध विश्वास दवरत नासताना गुरूलें वचन, गुरूलो स्वानुभव, साक्षात्कारान अभिप्रेत जालिलो अभीप्राय निश्चिंत मन आनि अंतःकरण उघड करनुं, आदर आनि श्रद्धेन स्वीकारचो आसता. जो हें मत मान्य करनुं आपण्याले जीवन परिवर्तन करता तो कर्माचे फ़लाचे परिणामा पासून मुक्त जाता.

पुण संसारांतु साधारणतः मनुष्याले विचार इंद्रियान प्रवृत्त आनि कामासक्त आशिल्यान घडचे सर्व प्रतिक्रिया अज्ञानाचे अवरणान झांकिल्ले आसताचि. कृष्णालें मत मान्य किंवा अनुसरण करत नाशिल्यान ते ज्ञान–विज्ञानाक वंचित जावनुं अज्ञानाचे काळोखंतु जीवन जगचे मूढ जन आसताचि – ''ये त्वेतदभ्यसूयंतो

नानुतिष्ठंति मे मतम् । सर्वज्ञानविमूढांस्तान् विद्धि नश्तानचेतसः ॥''. जे तरेन धुंवर अग्निक झांकता ते तरेन कामना, आसक्तिचें अज्ञान मनुष्याले मन झांकता, जाका लागून मानांतलि दैन्यावस्था भायर प्रगट जाता. देकून सर्व सामान्य जन तांगेले अज्ञानरूपी आहंकाराक लागून परमात्माक सहज शरण वचनांचि. तांगेले मनावयर अहंकाराचें आवरण पसरिल्यान नवे विचार मनांतु प्रवेश करचाक, नवी दिशा दिसचाक अडथले निर्माण जावनुं अध्यात्माचो मार्ग कणखर जाता. पुण भायरचें अवरण बदलचें तितलें आवश्यक आसना जितलें आवश्यक भितरलें अंतर्मन बदलचें आवश्यक आसता. तेन्नांचि भितर सुप्तावस्थेंतु आशिल्लो अनाहत अंतर्नाद उत्स्फ़ूर्त जावनुं आकाशांतु सर्व दिशेन समूह गायन जशें फ़ुलत, फ़लत, दुमदुमत पसरता. तोचि आसता ज्ञानि मनुष्यालो परमात्मालो साक्षात्काराचो क्षण, परमानंदानुभव. कृष्ण अर्जुनाक अर्जवून सांगता : सोड हो अहंकार, सोड ती दैन्यावस्था, इच्छा आकांक्षा, आशा अपेक्षा. स्वीकार कर अनासक्त योग आनि परमात्माक शरण वच. कारण मनांतु जर अहंकाराचो लवलेशबी आसतालो तर ताका सर्व त्याग करनुं शरण वच्चें अशक्य जातालें. जो मनुष्य आसक्त आसता तागेलें मन आशांत आसता, जाका लागून तागेले कर्म परमात्माले प्रति उदासीन आनि सीमित आसता. तागेले मनांतु परमात्माले प्रति निष्ठा अस्थिर आसता. कृष्ण म्हणता – ''सदृशं चेष्टते स्वस्याः प्रकृते ज्ञानवानपि । प्रकृतिं यांति भूतानि निग्रहः किं करिष्यति ॥''. जो मनुष्य स्वतः आस्थिर आसता तो निःश्चित सुखदुःखाचे जाळेंतु फ़सता. तो दुसर्यांक स्थिरथा कसली दिवूं शकतालो ?

इंद्रियांक लागून मनांतु वस्तु–पदार्थां विशय आकर्षण आनि विकर्षण निर्माण जायत आसता. देकून इंद्रियांचे प्रभावा सकयल कोणिंयी येवचें न्हंय म्हण्णुं कृष्ण सूचित करता – ''इंद्रियस्येंद्रियस्यार्थे रागद्वेषौ व्यवस्थितौ । तयोर्न वशमागच्छएत्तौ ह्यस्य परिपंथिनौ ॥''. संसारांतु तत्वज्ञानी, शिक्षक, प्रचारक, व्यक्ति, वक्ताले प्रवचनाक लागून धर्म संस्था, धर्म संप्रदाये वयर विश्वास दवरचे अनेक जन आसताचि. विश्वास क्षीण, खंडित जावनुं बदल्यार वेगळे धर्म संस्था, धर्म संप्रदाये वयर विश्वास दवरचांतु येता. पुण विश्वास दवरचें म्हळयार श्रद्धा आसता म्हण्णुं न्हंय. विश्वास मनाचो आधार घेत आसल्यार श्रद्धा अंतःकरणांतल्यान उत्स्फ़ूर्त जाता. सर्व साधारणतः मनुष्याले मन विश्वास दवरता, श्रद्धा न्हंय. मनांतले यश–अपयशाचें, सुख–दुःखाचें भय, स्वतःचे आप्तबांधवाले शाश्वतीचें–मरणाचें भय, हे सर्व विश्वासा वयर आधारित आसत. स्थिर जालिलो विश्वास तर्क–वितर्क, वाद–विवादान अविश्वासांतु परिवर्तन जावूं शकता.

पुण जो मनुष्य, एक धर्म संप्रदायेचे तत्व, कसलोयी पूर्व गृहित विचार–संस्कारांन प्रभावित जाय नासताना, संसारांतले झगमगचे आकर्षणेन प्रभावित जायनासता, मन उघडें दवरनुं वेद, उपनिशद, गीता वा पुराण शास्त्रांतले वचन निःष्पक्ष, निरपेक्ष, सरळ श्रवण, मनन, निधिध्यासनान केलिल्यान नवे द्वार उघडनुं, नवे दिशा दिसून, नवी वाट मेळून, नवे विचारांक प्रवेश मेळनुं प्रज्ञाशील जावनुं धर्म संस्था, धर्म संप्रदाये वयरचो विश्वास श्रद्धेंतु परिवर्तन जावनुं शास्त्रांतलो गूढार्थ सुलभ, सरळ, सुरळीत समजचांतु येतालो. कृष्णालें मत ध्यानपूर्वक इतलेंयी न्हंय तर श्रद्धापूर्वक आयकूवचाक जाय कारण कृष्ण केवल मित्र आनि असामान्य मनुष्य न्हंय तर साक्षात् परमात्मा जावनुं आसा.

राजा जनक हे मनोवृत्तीचो प्रत्यक्ष उदाहरण जावनुं आशिल्लो. ताणिं लोककल्याणा खातिर कर्म करनुं परम पद प्राप्त केलें – ''कर्मण्येव हि संसिद्धिमास्थिता जनकादयः ।''. जे तरेन परमात्मा वागता ते तरेन महानुभव वागताचि, जे महानुभव वागताचि ते तरेन सामान्य मनुष्यालि वागणूक आसल्यारि ते परमात्माले संकल्प पूर्ण करचाक सहभाग आसताचि म्हणयेत. जे मनुष्याले वृत्ति–प्रवृत्ति शुद्ध स्वरूपांतु परिवर्तन जालिली आसता तागेले मनांतु कसलेयी इच्छा कामना नाशिल्यान चित्त अनासक्त, शांत आनि स्थिर जावुं शकता. तागेले मनांतु अन्य जनांले प्रति मंगलमय विचार येवूं शकताचि, जाका लागून अंतःकरणांतु परमात्मालो निवास जावचाक संभव आसता. जनकादि संत साधु पुरुष हें जाणताले, देकून लोककल्याणा खातीर अनासक्त कर्म करत जीवन ते जीवताले आनि तेचि तरेन मनुष्यान संसारांतु जीवन जगका. पुण सामान्य मनुष्य जाणना ताका कितें जाय,

कितें मेळचाक जाय, कितें ताका मेळिलें आसा आनि कितें मेळिलें ना. देकून तागेले जीवनांतु सदा संघर्ष आसता, चैतन्य, ऊर्जा, उत्साह न्हंय. गति आसता; प्रगति न्हंय. एक लक्ष्य, ध्येय नासताना तो संसारांतु – "पुनरपि जननं पुनरपि मरणं पुनरपि जननीजठरे शयनम् ।", परत परत जन्म घेत आसत, जे तरेन तेल काडताना बैल गोल गोल फ़िरत आसता. फ़िरचें बंद करनु सुस्त बसचाक तो आतुर आसता, पुण गुण–स्वभावाक आहारी गेलिल्यान तो जाणना खंयचे तरेन अशांत मन शांत करचें.

परमात्माले खातिर करचें कर्म म्हळयार परमात्मालें देवता कार्यांतु सहभाग जावनुं केलिलें कर्म आसता. परमात्माले खातिर करचें यज्ञ–कर्म म्हण्णुं मान्य करनुं परमात्मान संसारांतु जें कांय प्रप्त करनुं दिलिलें आसा तें प्रसाद रूपन स्वीकारनुं व्यक्त करचि कृतज्ञता, धन्यवाद, आभार, परमानंद प्रदर्शन आसता. स्रिश्टींतु निर्माण जालिलो प्रत्येक मनुष्यालो स्व–धर्म अंतिम लक्ष्य आसल्यारियी तांगेलें स्व–कर्म तांगेले गुण स्वभावाक लागून विंग–विंगड आसता. आपण्याले गुण स्वभावाक लागून जर ताणीं स्व–कर्म साधलो तर स्वधर्म पूरक जावनुं लाभदायक जातालो. आनि आपण्याले गुण स्वभावाचे विपरीत जर ताणीं स्व–कर्म साधलो तर तागेलें कर्म धोखादायक जातालें. देकून कृष्ण सांगता – "श्रेयान् स्वधर्मो विगुणः परधर्मात् स्वनुष्ठितात् । स्वधर्मे निधनं श्रेयः परधर्मो भयावहः ॥".

कृष्णान पयलेंचि – "प्रकृतेः क्रियमाणानि गुणैः कर्माणोइ सर्वशः ।" म्हण्णुं प्रत्येकान आप–आपण्याले गुअ स्वभाका अनुरूप कर्म करचाक जाय म्हण्णूम् सांगिल्लें आसा. देकून गुलाबाचे जाडाक शेवंतीचे फ़ूल येना, गुलाबाचे झाडाक कमलाचे फ़ूल फ़ुलचें ना. सिंहाले पोटंतु कोल्हो जन्माक येना. गायीले पोटांतु वाघ जन्माक येना. उज्याचो गुण–स्वभाव उदकाक येवचो ना. उदकाचो गुण–स्वभाव उज्याक येवचो ना. उदकान आपण्यालो स्वधर्म उदकाचे गुण–स्वभावानुसार साधचाक जाय. उज्यान आपण्यालो स्वधर्म उज्याचे गुण–स्वभावानुसार साधचाक जाय. उदकान स्वधर्म उज्याचे गुण–स्वभावानुसार साधचाक गेल्यार तो असफ़ल जातालो इतलोचि न्हंय तर धोखादायक जातालो. उज्यान स्वधर्म उदकाचे गुण–स्वभावानुसार साधचाक गेल्यार तो असफ़ल जातालो इतलोचि न्हंय तर धोखादायक जातालो. देकून कृष्ण मनुष्याक सावधान करता किं उदाक जर उज्ज्यातरेन वागचाक गेलो तर तागेलो प्रयत्न असफ़ल जातालो. उज्जो जर उअदका तरेन वागचाक गेलो तर तागेलो प्रयत्न असफ़ल जातालो. कोल्ह्यान जर शरीरावयर सिंहाले चामडि चडयलि म्हण्णुं कोणींयी घाबरचे नांचि. गुलाबचे झाडाक कमळ फ़ुलचि अपेक्षा कर न्हंय. परधर्म हिमालया तरेन दूर आनि आकर्षक दिसता पुण गंगा नदी तरेन तहान पूर्ण करू शकना. स्वतःचें फ़ूल फ़ुलय नासताना दुसर्यान फ़ुलयिले फ़ूल पोळोवचांतु समय वायट करचो न्हंय. बापय, आवय, पूत, धूव, भाव, बायलेलो हे सर्वांलो संबंध एकमेकां बरोबर सलग आसल्यारियी प्रत्येकांलो धर्म तांग–तांगेले गुण–स्वभाव वेग–वेगळो असू शकता. जर स्वकर्म प्रत्येकाले गुण–स्वभावानुसार केलें ना तर कर्म फ़ुलचें ना, फ़लचें ना, स्वधर्म पूर्ण जावचो ना. मनुष्यालि अध्यात्माचि यात्रेचें फ़ळ मेळचें ना.

अर्जुनालें कुतूहल वाढत आसा. तो विचारता कसले कारणांक लागून मनुष्य स्वतःचे गुण स्वभावाचे विपरीत कर्म करचाक प्रवृत्त जाता – "अथ केन प्रयुक्तोऽयं पापं चरति पूरुषः । अनिच्छन्नपि वार्ष्णेय बलादिव नियोजतः ॥". कृष्ण निःसंशय सांगता – "काम एष क्रोध एष रजोगुणसमुद्भवः । महाशनो महापाप्मा विद्ध्येनमिह वैरिणम् ॥". जेन्नां इच्छा, कामना, वासना अतृप्त, अपूर्ण आसताचि तेन्नां मनूश्याले सात्विक गुणांवयर पांघरून पडून रजोगुण प्रज्वालिअत जावनुं राग, रोष, निराशा क्रोधांतु रूपांतरित जावनुं कठोर शत्रु रूपान मनावयर अज्ञान आनि मोहाचे धुंवराचें पांघरूण घालनुं जीवन प्रभावित करताचि – "धूमेनाव्रीयते वन्हीर्यथादर्शो मलेन च । यथोल्बेनावृतो गर्भस्थथा तेनेदमावृतम् ॥ आवृतं ज्ञानमेतेन ज्ञानिनो नित्य वैरिणा । कामरूपेण कौंतेय दुष्पुरेणानलेन च ॥".

किंबहुना हे चैतन्यावयर आसचो स्वाभाविक मल आसता, जाका लागून मनुष्य स्वतःचे मूळ गुण–स्वभाव पासून परान्मुख जालिलो आसता. अशुभ, विकृत, पाप वासनेक लागून इंद्रियं निरुपयोगी, अप्राकृतिक, अयोग्य माध्यम जाताचि. उपाय शोधचें आवश्यक आसता कारण हि स्थिति विषयांचो आकर्षणाक लागून सहज आसल्यारियी मूळ गुण–स्वभावाचे विपरीत आशिल्यान बदलचाक जाता, बदलचाक जाय. जों पर्यंत विषयांचो आकर्षण आनि वासनेचो मल मनावयर आसता तों प्रयंत मन आपण्यालो प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाचे अनुरूप स्वकर्म करनुं स्वधर्म साधचाक प्रवृत्त जावचो ना. देकून इंद्रियांवयर नियंत्रण दवरनुं ज्ञानाक अपायकारक जावनुं आशिलो वासनेचो निश्चयान आनि धृढतायेन नाश करका – ''तस्मात्त्वमिंद्रियाणि नियम्य भरतर्षभ । पाप्मानं प्रजाहीह्येनं ज्ञानविज्ञाननाशनम् ॥''. कारण शरीरापेक्षां इंद्रियं श्रेष्ठ आसताचि, इंद्रियांपेक्षां मन श्रेष्ठ आसा, मनापेक्षां बुद्धी श्रेष्ठ आसा, बुद्धीपेक्षां आत्मा श्रेष्ठ आसा – ''इंद्रियाणि पराण्याहुरिंद्रियेभ्यः परं मनः । मनसस्तु परा बुद्धीर्यो बुद्धेः परतस्तु सः ॥'.

कृष्ण दाखोवनुं दिता किं मनुष्यान समजले तरेन 'हांवु' म्हळयार हें शरीर न्हंय. देकून शरीर वासनेन ग्रस्त जाल्ल्यार मन आनि बुद्धीवयर नियंत्रण दवरचें शक्य जावचें ना. 'हांवु' म्हळयार अंतःकरणांतु आशिल्लो आत्मा जो बुद्धि, मन आनि इंद्रिया पेक्षां श्रेष्ठ आसा. इंद्रियं, मन आनि बुद्धी वयर नियंत्रण दवरल्यार आत्माचे द्वार उघडनुं परमात्मालो अनुपम शक्तिचो स्रोत प्राप्त जातालें. परमात्मा बुद्धि पेक्षा व्होड आसा म्हण्णुं जाणून सर्व इंद्रियां वयर नियंत्रण दवरनुं कामरूपी शत्रूक नाश करचाक जाय. होचि आसता साधनेचो मार्ग जो मनुष्याक अंतिम लक्ष्य – मोक्ष साध्य करनुं दिता. अध्यात्माचे प्रवासांतले पयलें पावूलचि अखेरचो लक्ष्य, दिशा निर्धार करता. देकून खंयचान, खंयचे मनास्थितींतु आनि खंयचे तरेन प्रवास सुरु जाता, खंयचे तरेन पयले पावूल घालचांतु येता, हें सर्व महत्वाचें आसता. ज्ञानि मनुष्यालिं वचन जिं शास्त्रांतु संकलित जालिलीं आसताचि तीं मनुष्याले मनावयलो अंधःकार दूर करनुं मुखावयलि दिशा दाखयताचि. दीशा समजल्यार प्रवास पूर्ण सुखाचो आनि सफ़ल जाता. संकल्प तेन्नांचि पूर्ण जाता जेन्नां मार्ग चलिल्यान काळांतरान लक्ष्य स्पश्ट दिसता, लक्ष्य प्राप्त जालिल्यान परमानंद आनि परम पदाचो समाधान अनुभवचांतु येता.

ध्यानांतु दवरका किं ज्ञान आत्माचे मूळ स्वरूप, स्थायी भाव जावनुं आसता, अज्ञान न्हंय. अज्ञानि म्हण्णुं समजचे मनुष्याले मनांतु सुद्धां ज्ञान आसता. पुण जे तरेन आकाशांतले सूर्याले अस्तित्व सूर्य आनि मनुष्या मदले ढगाक लागून जाणवना ते तरेन वासनेन प्रभावित जालिलो मनावयर अज्ञानाचे पांघरुणाक लागून मनांतलि ऊर्जा आनि अंतःकरणांतलो आत्मा जाणवना. वासना ओल्लीं लाकडातरेण अज्ञानाचे धुंवरान मनांतलि ऊर्जा आनि अंतःकरणांतलो आत्मा झांकता. ताजे विपरीत वासनेन भिजलेलें नाशिल्ले सुक्कें लाकडां तरेन शास्त्र संमत ज्ञान–विज्ञानान मनांतलि ऊर्जा प्रज्वलित जावनुं मनांतले सर्व अशुद्ध, अपवित्र लक्षणं नाश जावनुं प्रकाशित जालिले ते अंतःकरणांतु परमात्मालें प्रथम दर्शन जावनुं अंतिम परम, अव्यय स्थान प्राप्त जातालें. मनुष्यालें मनांतु शुभ संकल्प आनि अंतःकरण स्वच्छ, शुद्ध आसल्यार थंय मनुष्याक उत्तुंग परमानंद आनि परमात्मालो पवित्र परम पदाचें प्रतिबिंब स्पश्ट दिसतालें.

०००००



# *अध्याय चवथो*
# *ज्ञानकर्मसंन्यासयोग*

कृष्णाक अर्जुनाले मनावयलो मोह आनि विशाद दूर करचो आसल्यारियी तर्क बुद्धीक पटचे उत्तर अपेक्षित करचे श्रोताक उत्तर दिवचे वक्ता वयर विश्वास इतलीचि न्हंय तर श्रद्धा आसचाक जाय. कारण मनुष्यालो विश्वास बदलचें शक्य आसता पुण मनुष्यालि श्रद्धा बदलचें कठीण आसता. विश्वास मनाचि स्थिति आशिल्यान ती श्रद्धेंतु परिवर्तन जावचाक पयलें अंत:करणाचि अवस्था उघड दवरचि आवश्यक आसता.

ऋशि विश्वामित्रान भौतिक पातळी वयर इंद्रियांचे मुखांतर स्थूल पृथ्वि, आकाश, अवकाशंतु दिसचो सूर्याक माध्यम करनुं पॅलतडेन सूर्य मंडलांतु आशिल्लो 'तत् सवितृ वरेण्यं' – तें महान् सविता सूर्य नारायणालें अदृश्य, गूढ रहस्य –''ओं भुः भुवः स्वः तत् सवितृ वरेण्यं भर्गो देवस्य धीमहि धियो यो नः प्रचोदयात् ॥'' म्हण्णुं प्रार्थना करनुं आत्मसात् केलें. उपनिषदांतलो एक ऋशीन सविता सूर्यनारायणाले कल्याणकारी, पुण्यदायी मुखकमलाचे दर्शन घेवचाक भांगरा तरेन तेज:पुंज, झगझगचे सूर्याले किरणांक कवटाळनुं दवरचाक पूशन् देवाक – ''हिरण्मयेन पात्रेण सत्यस्यापिहितं मुखम् । तत् त्वं पूषन्नपावृणु सत्यधर्माय दृष्टये । पूषन्नेकर्षे यम सूर्यं प्राजापत्य व्यूह रश्मीन् । समूह तेजः यत्ते रूपं कल्याणतमं तत्ते पश्यामि ॥'' म्हण्णुं प्रार्थना केलि.

कृष्ण सांगता किं ताणें जें ज्ञान ताका आता पर्यंत भौतिक पातळीवयर दिलिलें तें ज्ञानाचें विज्ञान अव्यय योगाचे रूपान पयलें पुरातन काळांतु सूर्याक दिलिलें जें तानें मनूक, मनून इक्ष्वाकूक, इक्ष्वाकून अन्य राजर्षींक दिलें – ''इमं विवस्वते योगं प्रोक्तवानहमव्ययम् । विवस्वान्मनवे प्राह मनुरिक्ष्वाकवेऽब्रवीत् ॥ एवं परंपराप्राप्तमिमं राजर्षयोविदुः ।''. पुण तो अव्यय योग गंगा नदी तरेन शुद्ध पुण्यशील, परम पवित्र आसल्यारियी काळ, वेळ, समय आनि जनांले संपर्काक लागून भ्रश्ट, आशुद्ध, अपवित्र जालो – ''एवं परंपराप्राप्तमिमं राजर्षयो विदुः । स कालेनेह महतो योगो नश्टः परंतप ॥''.

संसारांतु मनुष्य इंद्रियांचे मुखांतर प्राप्त जालिलें सामान्य ज्ञानान समाधानी आनि निश्चिंत आसल्यारियी भौतिक पातळीवयलें ज्ञानाचे पॅलतडेन आशिल्लें अध्यात्मिक विज्ञानान प्राप्त जावचें परमानंद, सुख–समाधान मॅळत नाशिल्यान तो संसारांतु सतत संभ्रमांतु आसता. आतां पर्यंत अर्जुन आपूण पांडुपुत्र आनि कृष्ण देवकीपुत्र, आपण्यालो मित्र, सखा आनि संबंधि म्हण्णुं स्वीकारिल्यान कृष्णान भौतिक पातळीवयल्यान सांगिल्लें जन्म, मरणाचें गूढ रहस्य समजलें ना. पुण कृष्ण एक महागुरु आशिल्यान अर्जुनालो संभ्रम दूर करचाक ताका इंद्रियांचे प्रभावान विचलित जायत नासताना अध्यात्मिक विज्ञान आत्मसात् जावचाक प्रयत्न करत आसा.

'अव्यय योग' नित्य, शाश्वत, सनातन, अब्यय, अक्षर आसून ताका काळ, वेळ, समयाचे लागून सुरवात ना, अंत ना, एकपासऊन अन्य जनांक निरूपण जाताना मानसिक स्थैर्य आनि बुद्धीचि क्षमता क्षीण, विकृत, दुर्मेध, भ्रश्ट जाल्यारियी पोरणो जावनुं नाश जावाचो ना.

देकून आतां कृष्ण परमात्माले अध्यात्मिक पातळीवयल्यान तोचि पुरातन 'अव्यय योग' ताका परत निरूपण करचो आसा, कारण तो तागेलो सखा आनि मोगाचो आसा – ''स एवायं मया तेद्य योगः प्रोक्तः

पुरातनः । भक्तोऽसि मे सखा चेति रहस्यं ह्येतदुत्तमम् ॥''. सखा तो आसता जो मित्र आसून अंतःकरणा पासून मैत्रि करता. देकून तो कृष्णा पासून विभक्त न्हंय तर पूर्ण तरेन समावेश जावनुं सभक्त आनि परम प्रिय आसा.

''कितने ही इस योगसे और । हुवे हैं राजऋशि जानकर । किंतु इस युगमें पृथ्वि पर । कोयी न जानता ॥ जिन प्राणियोंका आधार । देह तथा कामना पर । जिससे विस्मृति अपार । आत्मबोधकि ॥ .. जैसे वैराग्यकी सीमा न जानते । विवेककी भाषा नही है सुनते । वैसे मूर्ख कहो कैसे जानते । मुझ ईश्वरको ॥ .. मेरे जीवनका गुपित । तुझसे छिपाना नहीं उचित । तू है मेरा आत्मीय बहुत । इसीलिये ॥ प्रेमका तू पुतला । भक्तीका है जिव्हाला । मित्रताकि चित्कला । धनुर्धर ॥ .. अन्य सब अब रहने देना । कोलाहलका विचार न करना । अज्ञान सब तेरा दूर करना । इसी समय ॥'' (ज्ञानेश्वर).

मनांतलो संभ्रम तेन्नांचि विसर्जन जाता जेन्नां श्रोता आनि वक्ता एकचि पातळीवययर संपर्क साधत आसताचि. पुण अर्जुनालें मन आनि अंतःकरण अजून उघड नाशिल्यान तो साधारण मनुष्या तरेन आपूण स्थूल रूप–आकाराचो कुंति पुत्र आनि कृष्ण स्थूल रूप–आकाराचो देवकी पुत्र, मित्र, सखा, हितचिंतक म्हण्णुं समजून तागेले शरीरा बरोबर जोडत आसा. ध्यानांतु दवरका किं सामान्य मनुष्य स्थूल दृश्य शरीर पळयत शरीरा वयर प्रेम करनुं संबंध बांदता. देकून ''इमं विवस्तते योगं प्रोक्तवानहमव्ययम् ।'' हें अनपेक्षित, अनाकलनीय आनि लोकविलक्षण विधान आयकून बुद्धिप्रधान आनि तर्कनिष्ठ अर्जुन संभ्रमांतु पडनुं कृष्णाक विचारता किं तागेलो जन्म मागीर जालो आनि सूर्यालो पुरातन काळांतु जालो देकून ताणें सूर्याक हो 'अव्यय योग' निरूपण केलिलो हे कशें साध्य आसतालें – ''अपरं भवतो जन्म परं जन्म विवस्वतः । कथमेतद्वजानीयां त्वानादौ प्रोक्तवानिति ॥''.

कृष्ण घोर अंगिरसाले शिखवणीक लागून जाणतालो किं शरिराचि उपस्थिति किंवा आनुपस्थिति आत्म्याचे द्रिश्टीन दुय्यम आसता आनि शरीर नाश जालिल्यान आत्मा नाश जायना. देकून कृष्ण शरीरांतु आशिल्ले अविनाशी, सनातन, अव्यय, अक्षर, नित्य निरंतर आसचे सूक्ष अदृश्य आत्मा चैतन्या वयर प्रेम करनुं तागेले बरोबर संबंध जोडता. आनि जो अर्जुनालो मित्र, सखा, संबंधि म्हण्णुं उलयत आशिल्लो तो आतां परब्रह्म, परमात्माले पातळी वयल्यान स्पश्टीकरण दिता – ''बहूनि मे व्यतीतानि जन्मानि तव चार्जुन । तान्याहं वेद सर्वाणि न त्वं वेत्थ परंतप ॥''.

हे तरेन स्पश्टीकरण दिवचो केवल कृष्ण नाशिल्लो तर व्यास, देवल्, असित असले अनेक क्रांतदर्शि ऋशीनिं सुद्धां सांगिल्लें किं पूर्व काळांतु बदरींतु ऋशि नारायण आनि ऋशि नराले स्थूल रूपांतु जे तप करत आशिल्ले तेचि द्वापर युगांतु कृष्णाले आनि अर्जुनाले स्थूल रूपान अवतार घेतिल्लो आशता. वाजश्रवस मुनीले पुत्र रूपान जन्म घेतिल्ले नचिकेताक हें ज्ञान आशिल्यान यम धर्मरायाक प्रार्थना केलिलि आसता किं परत वाजश्रवसाले कुळांतु जन्म घेवनुं वाजश्रवसाले मुखार आयले तेन्नां ताणें पुनर्जन्म घेतिले नंतर ताका बापयन ओळखुअवचाक जाय – ''शांतसंकल्पः सुमना यथा स्याद्वीतमन्युर्गौतमो माभि मृत्यो । स्वत्प्रसृश्ट माभिवदेत्प्रतीत ... ॥''.

जेन्नां चित्रकेतु राजा आपण्याले पुताले मरणान व्याकुळ जालिलो आसता तेन्नां ताका नारदमुनि समजायता किं आवय बापयले रूपान आशिल्लें दोन शरीरं पुत्र रूपान आशिल्लें शरीराक जन्म दिता पुण ते सर्व शरीरांतु आशिल्लो आत्मा परमात्माले तरेन सनातन आसता – ''देहेन देहिनो राजन् देहाद्देहोऽभिजायते । बीजादेव यथा बीजं देह्यर्थ इव शाश्वतः ॥''. देकून मनुष्यान विचार करचाक जाय कीं आपण्याले पूताले पूर्व जन्मांतु आपण्याले कसलो संबंध आशिल्लो, पुनर्जन्मांतु कसलो संबंध आसतालो? तेचि तरेन आपण्याले पूर्व जन्मांतु आपण्याले पूतालो कसलो संबंध आशिल्लो, पुनर्जन्मांतु कसलो संबंध आसतालो, हें विचार करनुं सुद्धां जाणनांचि. जे तरेन नदींतले प्रवाहाक लागून नदींतले रेवेंचे कणान कण पसरताचि ते तरेन संसारांतु जीव काळाचे ओघाक लागून पसरत पसरत एकमेकांक ओळखनांचि – ''कोऽयं स्यात् तव राजेंद्र भवान्

यमनुशोचति ।  त्वं चास्य कतमः सृश्टौ पुरेदान्मतः परम् । यथा प्रयांति सम्याआम्टी स्रोतोवेगेन वालुकाः । संयुज्यंते वियुज्यंते तथा कालेन देहिनः ॥'' (भागवत पुराण).

दॆकून कृष्णान दिलिलें स्पश्टीकरण परंपरेक लगून आसा. शरीर केवल एक माध्यम आशिल्यान जे तरेन ताणें भूत काळांतु पावूस पडताना आत्माक लागून पळयिलो आसता, जे तरेन वर्तमान काळांतु वॆगळें शरिर माध्यम करनुं तो पावूस पडताना पळयत आसा आनि तेचि तरेन तो भविष्य काळांतु सुद्धां तो वॆगळें शरीर माध्यम करनुं पावूस पडताना पळयत आसतालो म्हण्णुं ताका विश्वास आसा. अर्जुनाले प्रश्न्याचें स्पश्टीकरण – ''अजोऽपि सन्नव्ययात्मा भूतानामीश्वरोऽपि सन् । प्रकृतीं स्वामधिष्ठाय संभवात्ममायया ॥'' दिता. ध्यानांतु दवरका किं परमात्मा म्हळयार साकार आकारांतु दूर आकाशांतु आसचि एक व्यक्ति न्हंय तर अव्याकृत, निराकार शक्ति, अस्तित्व आसून स्रिश्टींतले प्रत्येक स्थूल रूप–आकारांतु अंश रूपान आसून ते रूप–आकारां माध्यम करनुं स्रिश्टि नियंत्रणेंतु दवरचाक सृजन जाता.  ''अजी ! तू नही जानता सब । जन्म हमारे तुम्हारे अब ।  बीते है कितने कैसे कब । यह तू उला है ॥  मैं जिस जिस अवसरमें । अवतरा हूं जिस रूपमें । वह सब अपने मनमें । स्मरता पार्थ ॥''(ज्ञानेश्वर). दॆकून तागॆलो, अर्जुनालो, तेचि तरेन भूत, वर्तमान आनि भविष्यकाळांतले सर्व जन, जीव जनांवरांलो आत्मा अविनाशी, सनातन चैतन्यमय जावनुं आशिल्यान तांगॆलें शरीराचो जन्म–मरण जालो म्हण्णुं तो चिंता, दुःख किंवा व्यथा करना.''अव्ययत्व मेरा न मिटता । किंतु जन्म मरण है दिखता । यह सब प्रकृतीसे भासता । मुझमें नहीं ॥ .. एक ही दीखता दुसरा । जो दर्पणका ले आधार । किंतु वहां वस्तु विचार । एक मात्र ॥''(ज्ञानेश्वर).

कृष्ण आतां परमात्माले भूमिके वयल्यान एक महत्वाचो सिद्धांत – ''यदा यदा हि धर्मस्य ग्लानिर्भवति भारत । अभ्युत्थानमधर्मस्य तदात्मानं सृजाम्यहम् ॥ परित्राणाय साधूनां विनाशाय दुष्कृताम् । धर्मसंस्थापनार्थाय संभवामि युगे युगे ॥'' म्हण्णुं सांगून मांडता. भागवत पुराणांतु परमात्माले पासून हे तरेन सृजन पाविले अनेक देव, ऋशी आनि महा मानवांलो उल्लेख जालिलो आसून ते सर्वांतु घोर अंगीरसाले – 'अक्षितमसि, अच्युतमसि, प्राणसंशितमसि' हे शिखवणीक लागून द्रिश्टिकोण व्यापक, विशाल आनि सखोल जालिले कृष्णालो जीवनांतु परमात्मालि सृजन शक्ति जास्त प्रभावित जालिलि दिसून आयिल्यान तो साक्षात परमात्मा, पूर्णावतार, पुरुषोत्तम म्हण्णुं मानचांतु आयलो – ''ऋषयो मनवो देवा मनुपुत्रा महौजसः । कलाः सर्वे हरेरेव मृडयंति युगे युगे ॥ एते शांसकलाः पुंसः कृष्णसु भगवान् स्वयम् ।''.

कृष्णान माडिल्लो सिद्धांत महत्वाचो आसा. दॆकून दासबोधांतु श्री रामस्वामीलें वचन –''वेदशास्त्र आणि पुराणें । महावाक्याचिं विवरणें । तनुचतुष्टयनिर्शयें । कैसी ते ऐकावें ॥ ऐसे हें अवधेचिं ऐकावे । परंतु सार शोधून घ्यावे । असार तें जाणोंनि त्यागावे । या नांव श्रवणभक्ति ॥'' लक्ष्य करनुं जे तरेन गायिलो शोध गायिले पाद चिन्ह पोळोवनुं शोधचो आसता ते तरेन  श्लोकांतलें गूढ रहस्य आत्मसात् करचाक जाय.

किंबहुना परमात्मान धर्तरे वयर अवतरण करचि संकल्पना मनुष्याले अध्यात्मिक विकासाचे पर्वाक लागून निर्माण जालिलि आसा. जॆन्नां मनुष्य आपण्यालें क्षेत्र–शरीर माध्यम करनुं क्षेत्रज्ञ–परमात्मालि पूजा–पाठ, जप–तप, चिंतन–मनन, ध्यान–धारण, कर्म आनि सर्व कर्म फ़ल श्रद्धेन समर्पन करनुं अंश रूपान आशिल्लि दिव्य आत्मशक्ति सृजन करता तॆन्नां ते घटनेक मनुष्य आपण्यालें व्याकृत जालिलें अस्तित्व परमात्माले अव्याकृत अस्तित्वांतु आरोहण करता म्हण्णुं मानचांतु येता. जॆन्नां स्रिश्टींतलि दुश्ट प्रवृत्ती नाश करनुं दुर्मेद जालिलो अव्ययोग परत प्रस्थापित करचे देवता कार्य पूर्ण करचाक एक विशिश्ट जीवात्मा अनेक जनम–जन्मांतराचे पुण्य कर्मांचे फ़लाक लागून अध्यात्म ज्ञान–विज्ञानान परिपूर्ण एक सक्षम माध्यम जाता तॆन्नां ते जीवात्माअले शुद्ध, पवित्र प्राकृत शरीरांतु परमात्मान अधिष्टान, अवतरण करता ऐ घॆतला म्हण्णुं मानचांतु येता. ध्यानांतु आसचाक जाय किं परमात्मालें देवताकार्य व्यापक, विशाल, विराट आशिल्ल्यन तें पूर्ण करचाक माध्यमरूपान उपयोजनेंतु येवचिं सर्व जीव एक समान सृजन जालिलिं आसताचि म्हण्णुं न्हंय. दॆकून थोडे अवतार विभूति म्हण्णुं

संबोधन करचांतु आयल्यार अन्य अवतार  आंशिक आसून केवल कृष्ण तागेली असामान्य व्यक्तिमत्वाक लागून पूर्णावतार म्हण्णुं मानचांत्य् येता.

ध्यानांतु दवरका किं देवता कार्य पूर्ण करचाक जे तरेन परमात्मालि परम उर्जाशक्ति साधु संत, श्रेष्ठ व्यक्तींक माध्यम म्हण्णुं वापरता तो तरेन असाधु, दुश्ट प्रवृत्तीचे नीच जनांक सुद्धां माध्यम म्हण्णुं वापरता. व्यास धृतराष्ट्राक सांगता किं जेन्नां भूदेवी वयर तामसिक गुण स्वभावाचे दुश्ट जनांलो अत्याचार जायत आसतालो तेन्नां तिका श्री विष्णून पांडूले पांच सात्विक पुत्र आनि धृतराष्ट्राले तामसिक गुण स्वभावाचे शंभर कौरवांक माध्यम करनुं कुरुक्षेत्राचो महा युद्धांतु दुश्ट जनांलो नाश करनुं संसारांतु परत धर्म, नीति आनि संतुलन स्थापन करता – ''धृतराष्ट्रस्य पुत्राणां यस्तु श्रेष्ठः शतस्य वै । दुर्योधन इति ख्यातः स ते कार्यं करिष्यति ॥ तं च प्राप्यं महीपालं कृतकृत्या भविष्यसि । तस्यार्थे पृथिवीपालाः कुरुक्षेत्रं समागताः ॥ अन्योन्यं घातयिष्यंति दृढैः शस्त्रैः प्रहारिणः । ततस्तो भविता देवी भारस्य युधि नाशनम् ॥'' म्हण्णुं आश्वासन दिलिलें आसा.

''समोऽहं सर्व भूतेषु न मे द्वेशोऽस्ति न प्रियः ।'' आनि ''यो यो यां यां तनुं भक्त श्रद्धयाऽचिंतुमिच्छति । तस्य तस्याचलां श्रद्धां तामेव् विदधाम्यहम् '' हे परमात्मालें ब्रीद वाक्य जावनुं आशिल्यान देवता कार्य पूर्ण करताना साधु जनांले गुण–स्वभाव आनि सात्विक प्रवुत्ति सुरक्षित दवरचें जितलें महत्वाचें आसता तितलेंचि असाधु जनांलि दुश्ट गुण–स्वभाव आनि तामसिक प्रवृत्ति समूळ नश्ट करचे महत्वाचें आसता. देकून ''परित्राणाय साधूनां विनाशाय दुष्कृताम् ।'' हे सूत्राचो शब्दार्थ साधूंलें सांत्वन आनि दुश्टांलें निर्दालन म्हण्णुं करचें संकुचित विचार आसतालो. देकून हे सूत्राचो यथार्थ शास्त्रांतले ज्ञान–विज्ञानान प्रभावित जालिलो सात्विक गुण स्वभावचे साधूंलें रक्षण करचाक आनि इंद्रियांचे प्रभावाक लागून दुष्कृत्य करचे तामसिक गुण स्वभावचे असाधु, असुरांलें अज्ञान, अशुद्ध, अपवित्र दुश्ट बुद्दि, दुश्चारित्र्य नाश करचाक –  ''विनाशाय दुष्कृताम्'' परमात्मा आपण्यालें देवताकार्य पूर्ण करता म्हण्णुं समजचें जास्त योग्य आसतालें. ''यदा यदा हि धर्मस्य ग्लानिर्भवति'' म्हळयार जेन्नां जेन्नां सनातन अव्यय योग अज्ञानाचि सावळि पडिल्यान भ्रश्ट आनि दुर्मेध जाता, ''प्रकृतीं स्वामधिष्ठाय संभवात्ममायया'' म्हळयार प्रकृतींतले एक विशिष्ठ स्थूल रूप–आकाराचो आधार घेवनुं किंवा माध्यम करनुं, ''तदात्मानं सृजाम्यहम् ।'' स्रिश्टींतु अंशरूपान प्रस्थापित केलिलि शक्ति–सामर्थ्य सृजन करचें आसता म्हण्णुं समजचाक जाय.

परमात्मा देवताकार्य साधताना जे तरेन मृदु, शांत मन, वाणि आनि कर्म वापरनुं सांत्वन करचें पडता तो तरेन तीक्ष्ण, कठोर मन, वाणि आनि कर्म वापरनुं शिक्षा दिवचें पडल्यार शिक्षा सुद्धां दिवचांतु येता. किंबहुना कांयियी नाश करचें पडना किंवा नाश जायना, शिवाय मनांतलो अंधःकार, अज्ञान आनि ताका लागून निर्माण जावचि दुश्ट, विकृत प्रवृत्ति. कृष्ण अर्जुनाक परमात्माले अध्यात्म भूमीकेवयल्यान सांगता किं जो तरेन कुरुक्षेत्र रणांगणां वयर समाजांतलि दुश्ट, विकृत प्रवृत्ति नाश करचे खातिर माध्यम जावनुं कर्म करचे दुश्ट प्रवृत्तिचे कौरवांलो नाश करचें आवश्यक आसता तो तरेन देवता कार्यांतु सहभाग जालिले राजसिक प्रवृत्तीन रणांगणा वयर आयिले भीष्म, द्रोण, कृप, कर्ण, आश्वत्थामादि जनांलो सुद्धा लौकिक द्रिश्टीन नाश करचें आवश्यक आसता.

वास्तवांतु स्रिश्टींतु जे सर्व घटना, संदर्भ, प्रसंग घडत आसताचि तो सर्व स्रिश्टींतु प्रत्येक घटक, जीव–जनांवरंतु अंशरूपान प्रस्थापित परमात्माले शक्तीक आनि व्यापक देखरेखी सकयल घडत आशिल्यान धर्माचे यम नियमं पालन करनुं स्रिश्टी नियंत्रणेंतु दवरचे दायित्व परमात्मालें मात्र न्हंय तर स्रिश्टींतले प्रत्येक जीव–जंतु, जन–जनांवर, साधु–संताले, श्रेष्ठ व्यक्तींले  जावनुं आसता. कारण जे तरेन श्रेष्ठ व्यक्ति आचरण करताचि ते तरेन जन सामान्यांले आचरण आसता. देकून समाजांतले श्रेष्ठ व्यक्तींक स्रिश्टी नियंत्रणेंतु दवरचे साध्य जायना तेन्नां तेन्नां एक विशिश्ट प्रभावी व्यक्तीले स्थूल रूप–आकारांतु अंशरूपान प्रस्थापित जालिलि शक्ति–सामर्थ्य सृजन करनुं परमात्मालें देवता कार्य पूर्ण करचांतु येता.

ऋग्वेदांलो ''त्र्यंबकं यजामहे सुगंधीं पुश्टिवर्धनम् । उर्वारकमिव बंधनात् मृत्योर्मुक्षीय मामऋतत्वात् ॥'' हे मृत्युंजय मंत्राचो यथार्थ जाणचे ज्ञानि जन शिवाक गुण–स्वभावाचे पैलतडेन आशिल्लो नित्य, अविनाशी, अव्यय, अमृतस्वरूप आत्माक नाश करनासताना संसारांतले अवगुण, दोश, दुश्ट प्रवृत्ति, अज्ञान, गुण–स्वभावान प्रभावित जावचे अनित्य, विनाशी शरीरांतल्यान मुक्ति प्राप्त करनुं दिवचाक याचना करताचि. किंबहुना देवताकार्याचो प्राथमिक उद्देश दुश्ट जनांलो विध्वंस न्हय तर दुश्ट जनांले मनांतु इंद्रियांचे प्रभाव आनि अज्ञानाक लागून निर्माण जालिलि दुश्ट प्रवृत्ती नाश करचो आसता म्हण्णुं संत ज्ञानेश्वरांले वचनांतु सूचित जालिलें दिसून येता – ''धर्मशास्त्र जो संपूर्ण । युगयुगमें रक्षण । करना मेरा लक्षण । आदिकालसे ॥ भूलता हूं तव अजत्व । छोडता हूं निराकारत्व । गिरता जब धर्म तत्व । अधर्मसे ॥ हितार्थ अपने भक्तोंके । आतां हूं अवतार लेके । मिटता तब अज्ञानके । अंध:कारको ॥ अधर्मकी सीमा तोडता । पापकी सनद फ़ाडता । सुखका ध्वज उभारता । सज्जनोंसे ॥ ... मिटकर अविवेकका काजल । करताहूं विवेक दीप उज्वल । जिससे योगियोंका दीपमाल । जले निरंतर ॥ ... ऐसे कार्यार्थ जगतमें । जनमता हूं युगयुगमें । जानता जो यह विश्वमें । विवेकी वही ॥''. संत ज्ञानेश्वरांलि अध्यात्मिक चेतना इतलि सखोल, संवेदनशील आनि व्यापक आशिल्लि किं तांका दुश्ट दीसनाशिल्ले केवल दुश्ट प्रवृत्ति दिसतालि. देकून तांगेले अखेरचि प्रार्थनेंतु सुद्धां ताणिं अज्ञानाक लागून मनांतलो अंध:कार आनि दुश्टांलें दुश्टपण नाश जावनुं तांगेले अंत:करणांतु ज्ञान–विज्ञानाचि सूर्योदय जावूं म्हण्णुं देवालागीं मागून घेतल्यां – ''मिटे इससे खलोंकि खलता । उनमें बढे सत्कम प्रियता । प्राणियोंमें परस्पर मित्रता । हो जीवभावकि ॥ मिटे दुरितका तिमिर । विश्व देखे स्वधर्म भास्कर । जो जो चाहे सो पावे वर । प्राणिमात्र ॥''.

संसारांतु सर्व सामान्य मनुष्य आपूण वेगळो आनि आपण्यालो आत्मा वेगळो म्हण्णुं समजून भौतिक अहंकाराक लागून मान्य करना किं इंद्रियं आनि प्रकृतिजन्य गुण–स्वभावाक लागून अशुद्ध, अपवित्र जालिलें आपण्यालें तन आनि मन पयलें शुद्ध, पवित्र करनुं मागिर तांका अध्यात्माचे दिशेन प्रवृद्ध जावचाक स्वत:चे अंतरंगांतु आशिल्लें आत्मतत्व सृजन करचें आवश्यक आसता. देकून परमत्मा, परब्रह्माले भूमीकेवयल्यान जें कृष्ण निष्ठून सांगता तें ताका समजचांतु येना. पुण जो मनुष्य कृष्णाले शरीरांतलें दैवी शक्तीचे अलौकिक अस्तित्व जाणता तो सर्व आसक्ति, भय क्रोधांतल्यान मुक्त जावनुं शरीर त्याग केलें नंतर परमात्मालें अव्यय परम पद प्राप्त करनुं परत हे इहलोकांतु जन्माक येना – ''जन्म कर्म च मे दिव्यमेव यो वेत्ति तत्वत: । त्यक्त्वा देहं पुनर्जन्म नैति मामेति सोऽर्जुन ॥ वीतरागभयक्रोधा मन्मया मामुपाश्रिता: । बहवो ज्ञानतपसा पूता मद्भावमागता: ॥''.

राग म्हळयार आसक्ती, विराग म्हळयार अनासक्ती. उदाहरणत: धन, ऐश्वर्य, सत्ता सुख आनि समाधाना खातीर राग किंवा आसक्ति असचें मनुष्यांलि साधारण प्रवृत्ति आसाता. विरागाक लागून सर्व धन, ऐश्वर्य, सत्ता सुख आनि समाधान त्याग करचें हि प्रवृत्ति धर्मिक भावना जागी जालिल्यान दिसून येता. पुण राग आनि विरागांचे पैलतडेन आसून राग–विराग, यश–अपयश, लाभ–हानि पैलतडेन वचून जीवचे ज्ञानी मनुष्याले असामान्य, असाधारण भवान वितराग म्हण्णुं उल्लेख करचांतु येता. राग आनि विराग हे संसारांतले भौतिक पातळीवयलि प्रतिक्रिया आसल्यार वीतराग संसाराचे बंधनांतल्यान मुक्त जावनुं आसचि अध्यात्मिक अवस्था आसता, जी प्राप्त जालिल्यान मनुष्य ज्ञान आनि तपाक लागून परमात्मालें अक्षय स्थान प्राप्त करता – ''यदा ते मोहकलिलं बुद्धिर्व्यतितरिष्यति । तदा गंतासि निर्वेदं श्रोतव्यस्य श्रुतस्य च ॥''.

सामान्य जन परमात्मालो उडगास केवल संसारांतले जीवन जगचे खातिर करत आसताचि. पुण संसारांतले आकर्शणान प्रभावित जाय नासताना परमात्माक शरण गेलिल्यान – ''ये यथा मां प्रपद्यंते तांस्तथैव भजाम्यहम् । मम वर्त्मानुवर्तंते मनुष्या: पार्थ सर्वश: ॥'' ते तरेन तांका आश्रय दिवचे परमात्माक समर्पित जावचें जीवन जगनांचि. शरण गेलिल्यान तांका कांयि करचें पडना जें कांय करचें आसता तें सर्व करचांतु येता, जें घडचें आसता तें सर्व घडत आसता. पुण जे जन इहलोकांतु कर्मफ़ल प्राप्ती खातिर इच्छा, संकल्प करनुं

देवांक पूजताचि तांका हे मनुष्य लोकांतु तुरंत आनि सरळ प्राप्त जाता – ''कांक्षत कर्मणां सिद्धिं यजंत इह देवता: । क्षिप्रं हि मानुषे लोके सिद्धिर्भवति कर्मजा: ॥''. असाधू जन इंद्रियासक्त, अज्ञान आनि अहंकारान तप करनुं स्वत:चे स्वार्थ साधत आसल्यार साधु संत तप करनुं अनासक्त, पवित्र आनि शुद्ध संकल्पनेन लोककल्याण साधताचि.

मनुष्यालो गुण स्वभाव तागेले जीवनाचि दिशा निर्धार करता. पुण पयलें प्रथम स्रिश्टींतु निर्माण जालिले प्रत्येक घटकांलो गुण स्वभाव समजचांतु आयिले नाशिल्यान सर्व एक गुण स्वभावाचे आसताचि म्हण्णुं मानचांतु येतालें. देकून मनुष्यांले विकासाचे प्रथमावस्थेंतु समाज वर्णाश्रमाचे व्यवस्थेन विभाजन जालिलो नाशिल्लो. पुण जशें जशें मनुष्यांलो विकास जावचाक लागलो तशें तशें प्रत्येक घटकांलो गुण स्वभाव वग-वेगळो आशिल्लें लक्ष्यांतु आयले. देकून महाभारतांतु सांगचांतु आयलें –एकवर्णं इदं पूर्णं विश्वं आसीद् युधिष्ठिर । कर्मक्रियाविशेषेण चातुर्वर्ण्यं प्रष्ठितम् ॥''. कृष्ण परमात्माले भूमिकेवयल्यान म्हणता किं गुण आनि तांका अनुरूप आशिल्लें कर्माचे अनुरूप ताणें पुरातन काळांतूचि चार विभागांतु प्राप्त करनुं दिलिलो आसा – ''चातुर्वर्ण्यं मया सृश्टं गुणकर्मविभागश: । यस्य कर्तारमपि मां विध्यकर्तारमव्ययम् ॥''.

वर्ण म्हळयार गुण स्वभावाक अनुरूप केलिलें वर्णन – ''वर्णयिति ते वर्ण: ।''. वर्णाश्रम मनुष्याले प्रकृतिजन्य गुण स्वभावा वयर निर्भर आसून तो जातींतु, कुळांतु जन्म घेतिल्यान निश्चित जायना. उदाक वस्तु भिजयता; उजो वस्तु जळयता. उदाक वस्तु जळयना, उजो वस्तु भिजयना, देकून उदकान वस्तु जळोवचो हव्यास धरचो न्हंय, उज्यान वस्तु भीजोवचो प्रयत्न करचें न्हंय. जे तरेन सात्विक मनुष्य वागू शकता ते तरेन तामसिक स्वभावाचो मनुष्य वागूं शकना; राजसिक स्वभावाचो मनुष्य सात्विक स्वभावान वागूं शकना. गुण-स्वभावांचो आनि कर्मचो योग्य संतुलन आनि मेळ जमल्यारि जीवन सफ़ल जाता. दर एक आपण्याले गुण स्वभावाक लागून आत्मा बरोबर संबध जावचें मनुष्यालें अंतिम लक्ष्य आनि ध्येय जावनुं आसता. जर मनुष्यान आपण्यालें स्व-कर्म आपण्याले स्व-धर्म म्हण्णुं केलो तर ताका यश मेळ्ळें शिवाय उरचें ना. स्वत:चे गुण-स्वभावानुसार कर्म जर यज्ञकर्म म्हण्णुं केलें तर प्रजापतीन पुरातन काळांतु प्रस्थापित केलिले यज्ञसंस्थेचे नियमांनुसार केलिलें कर्म जातालें.

परमात्मा भेद-भाव करना. कोणियी ऊंच-नीच आसना, एकमेकांतु वैर न्हंय तर मैत्रि आसता, नासल्यार आसचाक जाय म्हण्णुं पारमात्म आशा करता. स्रिश्टींतु प्रत्येकालें उत्तरदायित्व स्रिश्टी नियमांनुसार निर्धारित जालिले आसता. हे चार वर्ण एकमेकां पासून वेगळे किंवा स्वतंत्र नासताना एक मेकांक पूरक आसताचि. शिवाय ध्यानांतु दवरचें आवश्यक आसता किं गुण स्वभाव स्रिश्टींतले प्रत्येक लागू आसल्यारियी वर्णाश्रमाचि कल्पना मनुष्यांले समाजाचे खातिर निर्माण केलिलि व्यवस्था आसून ति स्रिश्टींतु अन्य खंयचेयी घटकांक लागुं पडना. सात्विक गुण, स्वभावाक अनुरूप परमात्मालो साक्षात्कार प्राप्त केलिले जनांक ब्रह्मवेत्ता, ब्रह्मज्ञानी, ब्राह्मण म्हणचांतु आयलें. राजसिक गुण, स्वभावाक अनुरूप सामान्य जनांले आनि ब्राह्मणांले प्रतिभेक लागून निर्माण जालिले वेद विद्या, सामाजिक, सांस्कृतिक आनि अध्यात्मिक अस्मिता संरक्षण करचे जनांक क्षत्रिय म्हणचांतु आयलें. सात्विक-राजसिक गुण, स्वभावाक अनुरूप संसारांतु भौतिक पातळिवयर कृशि, व्यापार, आर्थिक, सामाजिक दायित्व सांभाळचे जनांक वैश्य म्हणचांतु आयलें. आनि जे सात्विक-राजसिक-मिश्रित गुण, स्वभावाक लागून संसारांतु ब्राह्मणांले तरेन ज्ञान-विज्ञान, क्षत्रियांले तरेन शौर्य, वैश्यांले तरेन धन संपादन करू शकनांचि पुण केवल श्रम करनुं समाजाक आधार दिवू शकताचि तांका शूद्र म्हणचांतु आयलें.

वर्णाश्रम मनुष्यांले प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाक लागून निर्धारित जायत आशिल्यानसात्विक गुण स्वभावाचे पुलत्स्य ऋशिले कुळांतु असुर गुण स्वभावाचो रावणा जन्म घेवू शकलो, असुर गुण स्वभावाचे हिर्यण्यकषिपूले कुळांतु सात्विक गुण स्वभावाचो प्रह्लाद जन्म घेवू शकलो, क्षत्रिय गुण स्वभावाचे कुळांतु जन्म घेतल्यारियी सात्विक गुण स्वभावाचो विश्वामित्र ब्रह्मतेजाक लागून गायत्रि मंत्राचो द्रश्टा जालो, सत्विक गुण

स्वभावाचे जमदग्नीले कुळांतु जन्म घेतल्यारियी राजसिक गुण स्वभावाचो परशुराम उनम्त जालिले क्षत्रियांलो नाश करचांतु प्रभावी माध्यम जालो. क्षत्रिय कुळांतु जन्माक येवनुं क्षत्रिया तरेन राजसिक गुण स्वभावाचो शूर वीर आसून, आनि ब्राह्मणा तरेन सात्विक गुण स्वभावाचो असून संसारांतले विशाल, विराट, व्यापक ज्ञान–विज्ञानाचो प्रभुत्व प्राप्त करनुं कृष्ण द्वापर युगांतु असामान्य बुद्धि आनि कर्तुत्वाचो ब्रह्मज्ञानि, जगद्गुरु, पुरुषोत्तम, परब्रह्म, परमात्मा म्हण्णुं तीन लोकांतु प्रख्यात जालो.

पुरातन काळांतु मनुष्य खंयचेयि कुळांतु जन्म घेतल्यारियी आप–आपण्याले गुण, स्वभावाक लागून आपण्यालो स्व–धर्म स्वीकारनुं कर्म केल्यार अध्यात्मिक पातळीवयर तागेलें जीवन सार्थक जातालें म्हण्णुं समज आशिल्लो. देकून पयलें पयलें समाजांतु भौतिक पातळीवयले शक्ति सामार्थ्या पेक्षां अध्यात्मिक पातळीवयले शक्ति सामार्थ्य श्रेष्ठ म्हण्णुं मानचांतु आयिल्यान क्षत्रिया पेक्षा ब्राह्मण श्रेष्ठ म्हण्णुं मानचांतु येताले. पुण काळांतरान जशें जशें भौतिक पातळीवयर समाजांतले आर्थिक क्षेत्रांतु प्रगति जावनुं राजकीय आनि आर्थिक क्षेत्रांतु मूळभूत परिवर्तन दिसचांतु आयले. अध्यात्मिक पातळीवयलि विद्या, आनि तपना ब्रह्मतेज प्राप्त केलिले ब्राह्मण वर्णा पेक्षा भौतिक पातळीवयर विषयांचे आकर्षण आनि अहंकाराक लागून शक्ति सामर्थ्यवान् आशिल्ले क्षत्रियांलें, धन–ऐश्वर्यान समृद्ध आशिल्ले वैश्यांलें आनि आपण्याले श्रमाक लागून शूद्रांलें महत्व जास्त प्रभावी जालिल्यान गुण–कर्माक लागून निर्धारित जालिले वेग–वेगळे वर्णांतलो अंतर कमिं जालो आनि पारंपारिक वर्णाश्रमाक विकृत स्वरूप आयलें आनि समाजांतले जन आप–आपण्यले कार्य क्शेत्र आपण्याले गुण स्वभावाक अनुरूप न्हंय तर भौतिक पातळीवयर धन–ऐश्वर्यान आकर्शित जावनुं आपण्यले गुण स्वभावाक विपरीत कर्म करचाक प्रवृत्त जाले. हे सर्व स्थित्यंतरांअक लागून समाजांतु परंपरागत वर्णाश्रम सढल आनि स्वरूप विकृत जालें. वर्णाश्रम लुप्त जावनुं जे कुळांतु जन्मक आयला ते जाति वयर मनुष्याले स्थान निश्चित जावचाक लागलें.

किंबहुना द्वापर युगाचे अखेरचे थोडे वर्सांतूचि सामाजिक पातळीवयर वर्णाचे संस्कारांतु मिश्रण जालिल्यान अध्यात्मिक पातळीवयर गुण, स्वभावाक लागून निर्धारित जालिलो शुद्ध स्वरूप वर्णाश्रम दूशित, विकृत जालिलो प्रत्यक्षांतु अनुभवचाक आयलो. देकून युधिष्ठिरा उद्गार काडता किं मनुष्यलो वर्ण ओळखुवचें कठीण जालिल्यान ज्ञानि तत्वदर्शक मनुष्याले आचरण, शील आनि ताका लागून तागेलो गुण स्वभाव आनि अनुषंगन तागेलो वर्ण निश्चित जाता – ''संकरात् सर्ववर्णानां दुश्परीक्षेति मे मतिः ॥ सर्वे सर्वास्वपत्यानि जनयंति सदा नराः । वांमैथुनमथो जन्म मरण् च समं नृणाम् ॥ इद्मार्षं प्रमाणं च ये यजामह इत्यपि । तस्माच्छीलं प्रधानेष्टं विदुर्ये तत्वदर्शिनः ॥''.

कृष्णान जे वर्णाश्रमाचो पुरस्कार केलो तो धर्म, अर्थ, काम आनि मोक्ष हे चार पुरुषार्थांचे अनुशंगान मनुष्याले विकासाक पूरक जावनुं आशिल्लो. समाजाचो विकास समाजाचे अविभ्बाज्य घटक जावनुं आशिल्ले मनुष्याले गुण–स्वभावाक अनुसरुन कर्म केलिल्यान, एकमेकांतु संघर्ष करनुं न्हंय तर समाजाचि मैत्रि, सहभाव, सहवास आनि सहयोग वाढनुं वेद संस्कृतीचे सहज परिपूर्णता प्राप्त करनुं दिता. पुण जन सामान्यांतु हो उदात्त द्रिश्टिकोण नाशिल्यान सर्व सामान्यतः मनुष्य विषय वासनेन आनि इंदियासक्त जावनुं जें श्रेय आसता तें स्वीकार नासताना जें प्रेय आसता ते स्विकारिल्यान भारतांतलो समाजाचि मानसिक आनि अध्यात्मिक अस्तित्व वेद संस्कृतीचे भव्य व्यापक विचारां पासून वेगळो, विभक्त जालि.

जे तरेन सूर्य उदेता, पावूस पडता, काळ बदलता, ऋतु बदलता, परिवर्तन जाता, पेरिलें बींय अंकुर जाता, अंकुर जालिलें सस्य झाड जाता, फ़ुल्लं फ़ुलताचि, फ़ळ फ़ळताचि, कर्म विकसित जाता, संसार अभिवृद्ध जाता ते तरेन तागेले सर्व कर्म यज्ञकर्मांतु सहज, सरळ, सुरळीत रूपांतरित जाताचि. कर्म करचें आसता म्हण्णुं न्हंय तर कर्म जीवानाचे एक अविभाज्य अभिव्यक्त स्वरूप आसता म्हण्णुं कर्म करचें अपेक्षित आसता. आपण्याले गुण स्वभावाक लागून कर्म करचे मनुष्याक पुण ताका साधूंलें ज्ञान–विज्ञान संरक्षण केलें म्हण्णुं फ़लाचि आशा ना, असाधूलें अज्ञान निर्मूलन केलें म्हण्णुं समाधान ना. जे तरेन अस्तित्व निरुद्देश्य असता, ते

तरेन कृष्ण सहज, सरळ, निरुद्देश्य कामनेचो प्रतीक आसा. देकून कृष्ण म्हणता किं तो वर्णाश्रमाचो कर्ता आसल्यारियी तागेलें कर्म अकर्म जावनुं आसा, कारण तो केलिलें कर्म आनि कर्माचे फ़ला पासून अलिप्त आसता – ''न मां कर्माणि लिंपंति म मे कर्मफ़ल स्पृहा ।''. कृष्णालें कर्म स्वतःचे गुण स्वभावाक लागून स्वधर्मानुसार आशिल्यान अनासक्त आसता.

जो मनुष्य आप–आपण्याले गुण स्वभाव आनि स्वधर्माक लागून स्वकर्म करता तो ते कर्मापासून बंधिस्त जायना, ताजे विपरीत तो सदा सर्वदा मुक्त आसता. कृष्णान वर्णाश्रामाचि कल्पना पुरुषार्थाक आनि गुण स्वभावाक लगून निर्धारित केलिल्यान जो मनुश्ःय अर्थ आनि कामनेचि परिपूर्णता स्वतःचो स्वार्था खातिर न्हंय तर पुरातन काळापासून प्रस्थापित जालिले ऋतु नियम, धर्माचे आधारा वयर मनुष्याक अखेरचें लक्ष्य – मोक्ष प्राप्त करचें आसता. जो हें जाणता तो ताणें केलिले कर्माक लागून बंधनांतु आसचो ना – ''इति मां योऽभिजानाति कर्मभिर्न स बध्यते ॥''.

पूर्व काळाचे ज्ञानि मनुष्य हे तरेन जाणनुं आपण्यालें कर्म करत आसताले, देकून अर्जुनान सुद्धां तेचि तरेन कर्म करचाक जाय – ''एवं ज्ञात्वा कृतं कर्म पूरवैरपि मुमुक्षुभिः । कुरु कर्मैव तस्मात्वं पूर्वैः पूर्वतरं कृतम् ॥''. कारण अनासक्त जावनुं कर्म सहज, सरळ करचें एज कौशल्य आसता – 'योगः कर्मसु कौशलम्'. होचि आसा कृश्णालो कर्मापासून अनासक्त आनि अलिप्त आसून कसलेयी पूर्वगृह, आशा, आकांक्षा, संकल्प, संस्कारांचे दडपण नासताना सहज उत्स्फ़ूर्त जावनुं निःस्वार्थ भावनेन करचो अनासक्त कर्मयोग.

जशें जशें प्रश्न्यांक उत्तर मेळत गेलें तशें तशें अर्जुनाले मनांतलो संभ्रम वाढत गेलो. कृष्ण गुण स्वभावा सयत कर्म, कर्मयोगाचो उल्लेख करता आसा. देकून अर्जुनाक आतां कर्म म्हळयार कितें, अकर्म म्हळयार कसलें आनि विकर्म हें कसल्याक म्हणताचि हें जाणचें आसा. कृष्ण म्हणता किं कर्माचि व्याख्या करचें कठीण आसता कारण कर्माचि गति विचित्र आनि गूढ आसता. कर्माचे गूढ रहस्य जाणचाक ज्ञानि जन सुद्धां संभ्रमांतु पडताचि – ''कर्मणो ह्यपि बोधव्यं बोधव्यं च विकर्मणः । अकर्मणश्च बोधव्यं गहना कर्मणो गतिः ॥'' म्हण्णुं अर्जुनाक सावध करत विस्तारान स्पश्टीकरण दिता – ''तत्ते कर्म प्रवक्ष्यामि यज्ज्ञात्वा मोक्ष्यसेऽशुभात् ॥''. कारण अर्जुन तागेलो मित्र आनि सखा आशिल्यान ताका मोक्ष प्राप्त करनुं दिवचें हें कृष्णालें दायित्व, इच्छा आनि लक्ष्य जावनुं आसा.

वस्तुस्थितींतु मनुष्य भौतिक पातळिवयर स्वतंत्र विचार किंवा कर्म करू शकना. कारण पूर्वकाळांतल्यान मनांतु इंद्रियांचे प्रभावाक लागून संकलित जालिले विचार, संस्कार अडथळे घालनुं ताका स्वतंत्र विचार आनि कर्म करचाक अवकाश दीनांचि. देकून सर्व साधारण मनुष्य जें कर्म म्हण्णुं करता तें वास्तवांतु ताणें केलिलें कर्म नासताना इंद्रियांचे प्रभावाक, संचित जालिले विचारांक, संस्कारांचि प्रतिक्रिया आसता. नवे, शुद्ध, पवित्र, स्वतंत्र, संतुलित आनि समतोल विचार मनांतु तेन्नांचि निःसंशय आनि निश्चित प्रवेश करू शकताले जेन्नां भूत काळांतले पूर्वगृहित विचार, संस्कार आनि तेचि तरेन भविष्य काळांले इच्छा, अपेक्षा मनांतल्यान पूर्ण विसर्जन जावनुं, कृष्णान म्हळ्ळे तरेन 'सर्व धर्मान् परित्यज्य', संपादन केलिलें ज्ञान–विज्ञान, शक्ति–सामर्थ्य, धन–ऐश्वर्य, सेवा गुण–स्वभावाक अनुरूप केलिलें कर्म परमात्माक समर्पित करचांतु येतालें. वर्णाश्रमाचि व्यवस्थेक समाजांतले प्रत्येक घटकांनि एकमेकांक सहाय्यक, पोशक आनि पूरक जावनुं स्रिश्टीचो सर्वांगी, व्यापक आनि परिपूर्ण करचांतु येतालें.

सर्व सामान्य मनुष्य जे तरेन शरीराचे भायर स्थूल वस्तु–पदार्थांचे आकर्षणान वर्तमान काळांतु सुख–समाधानाचो उपभोग घेवचाक आनि भविष्य काळांतु दुसरें कांयतरी, केन्नां तरी प्राप्त जावचे खातिर, एक कामना सुख दीनासल्यार तागेले मनांतु दुसरी कामना जागी जायत कर्म करता ते तरेन तो शरीराचे भितर आशिल्ले आत्मानुभवाचो परमानंद घेवचाक कर्म, यज्ञ कर्म म्हण्णुं करचें नितांत आवश्यकता आसल्यारियी तें करचाक रस, रुचि दाखयना. हे तरेन मन वार्या तरेन भ्रमण आनि उज्ज्या तरेन भगभगत आसता. असंतोष मनांतलि

आशा, कामनेक क्षीण जावचाक अवकाश दीत नासाताना क्रम क्रमान तीक्ष्ण दवरता, जाका लागून जीवनांतु सतत हुरहुर, धडपड, संघर्ष आसता.

अनासक्त कर्म करचें म्हळयार मनुष्यान कांयि कर्म करत नासताना बसचें म्हण्णुं न्हंय. आळशी मनुष्य कांयि करत नासताना स्वस्थ बशिल्लो आसा म्हण्णुं तो अकर्मी जायना. गाढ निदेंतु आसचो मनुष्य शरीरान काम करना म्हण्णुं अकर्मी जायना, कारण जेन्नां शरीर भायल्यान कर्म करना, तेन्नां तागेलें मन भितरल्यान आसक्ति, इच्छा–कामना, संकल्पाक लागून, जो पर्यंत मनुष्याले अंतरंगांतु आत्मा सतेज आसता तो पर्यंत एक क्षण स्वस्थ आसनासताना तो मनुष्य कर्म करत आसता.

देकून अकर्म तें कर्म आसता जें भितर आसक्ति, इच्छा, आशा, आकांक्षा नाशिल्यान भायर परिणामरूप कर्म करचें आसना. अकर्म म्हळयार भितरल्यान मन मौनावस्थेंतु आशिल्यान मनुष्याले मनांतु विचारांचे तरंग उठनांचि. कर्म फ़ल त्याग करनुं नित्य तृप्त जावनुं आशिल्ले मनुष्याक कसलेयि वस्तु पदार्थांचि अपेक्षा नाशिल्यान तो सर्व कर्मां पासून अलिप्त आसून, कर्म करत आसल्यारियी अकर्मि आसता. मन आनि अत्मा वयर नियंत्रण आनि मनांतु कसलेयी वस्तु–पदार्थांचि आसक्ति विशयवासना नाशिल्यान जो शरीरान मात्र कर्म करता ताका कसलेंयी पाप किंवा अवगुण स्पर्श करचे नांचि. जेन्नां मनांतल्यान सर्व आसक्ति, इच्छा–कामना, संकल्प विसर्जन जाताचि तेन्नां थंय निर्माण जालिले पोकळींतु नवे विचार जन्माक येवनुं स्वतंत्र कर्म सहज, स्वयंस्फ़ूर्त करचांतु येता, जें कर्म बंधनकारक जावचें ना. मनांतु द्वंद्व विचार येवचाक दीत नासताना सुख–दु:ख, आशा–निराशा, उन्नति–उणिव, यश–अपयश समसमान आनि जें मेळता तांतु सुख–समाधान माननुं जो कर्म करत तो कर्म करत आसल्यारियी ते कर्माचे फ़ल ताका बंधनकारक जावचे नाशिल्यान तो अकर्मी आसता. अंत:करणांतु गूढ गुहेंतु निपून आशिल्ले परमात्मालें दर्शन जावचें आसल्यार मन आनि अंत:करणांतल्यान सर्व विचार आनि भाव समूळ उपटून काडनुं शुद्ध, पवित्र करचें आवश्यक आसता. भितरले सूक्ष्म आत्माचें आकर्षण आशिल्यान तो शरिरान करचें कर्म करत भौतिक जीवनांतु, संसारांतु सहज मिसळता. इंद्रियांचे माध्यमांतल्यान मेळचें भौतिक सुख क्षणिक आनि विनाशी म्हण्णुं दाखोवनुं अतींद्रिय माध्यमांतल्यान नित्य निरंतर मेळचें शाश्वत अध्यात्मिक सुख म्हण्णुं कृष्ण पुरस्कार करता.

अकर्म म्हळयार तें कर्म आसता जें भायर शरीराचे मध्यमाक लागून कर्म करचें आवश्यकता नासताना भितरल्यान अनासक्त कर्म घडत आसता. कर्म आनि अकर्म, आसक्त कर्म आनि अनासक्त कर्मांतलो संबंध जो जाणता तो ज्ञानी मनुष्य कर्माचे बंधनांतल्यान मुक्त जाता. जो मनुष्य भायर भितर अकर्मि आसता ताका प्रतिकर्म स्पर्शबि करना – ''कर्मण्यकर्म य: पश्येदकर्मणि च कर्म य: । स बुद्धिमान् मनुष्येषु स युक्त: कृत्स्नकर्मकृत् ॥''.

देकून जें पयलें सांगले तेंचि पुनरावर्तन करनुं कृष्ण म्हणता किं जे मनुष्याले सर्व प्रयत्न सकारात्मक अध्यात्मिक ज्ञान सुखा खातिर आनि अहंकाराक लागून निर्माण जालिले नकारात्मक कामना आनि संकल्प ज्ञानाचे सकारात्मक प्रखर अग्नींतु भस्म करचाक आसताचि म्हण्णुं समजता तो ज्ञानि म्हणचांतु येता – ''यस्य सर्वे समारंभा: काम संकाल्पवर्जिता: । ज्ञानाग्निदग्धकर्माणं तमाहु: पंडितं बुधा:॥''. जो मनुष्य संसारांतु गुण–स्वाभावाक लागून सहज केलिलें कर्मान नित्य तृप्त आसता तो कर्म करत आसल्यारियी कांयि करना – ''त्यक्त्वा कर्मफ़लासंग नित्यतृप्तो निराश्रय: । कर्मण्याभिप्रवृत्तोऽपि नैव किंचित्करोति स: ॥''. तागेलें सुख स्वयं प्रमाणित समाधानान परीपूर्ण आशिल्यान ताका कसलेयी अपेक्षा नासताना तो मन आनि अत्मा वयर नियंत्रण दवरनुं अभिमान वर्ज्य करनुं सर्व कांय करत आसल्यारियी आपूण कांयी करना म्हण्णुं मानता – ''निराशीर्यतचित्तात्मा त्यक्तसर्वपरिग्रह: । शरीरं केवलं कर्म कुर्वन्नाप्नोति किल्बिषम् ॥''.

हीचि कर्म आनि अकर्मां मदलि विकर्माचि अवस्था आसता, जें समजचें अत्यंत गूढ आनि गहन जावनुं आसा. वस्तु पदार्थाविशय आसचि आसक्ति आनि ताजे विपरीत आसचि आनासक्ती आनि हें आपण्याले आसा आनि तें केवल आपूणचि भोगतालो दुसरे कोणिंयि नांचि असलि मनोवृत्तींतलो भेद कृष्ण दाखयता. जो मनुष्य

तो भेदाचें रहस्य जाणता, ताका मुक्तीचे द्वार उघड आसता. कसलेयी एकाचि आसक्ति करत नासताना कसलेयी एकाचि आसक्ति आसनासताना, कसलेयि स्पर्धा करत नासताना, जें मेळ्यां तें स्वीकारनुं समाधान पावनुं कर्म केल्यारियी जें कर्म करचांतु येता तें स्वतंत्र आसता. जो पर्यंत मन एक वस्तु, घर–दार, बायल–चेरडूंव, आप्त–बांधव, सामाजिक–धार्मिक व्यवस्था, देश, प्रदेश आनि राष्ट्रा बद्दल आसक्त आसता तो पर्यंत तो संसारांतले बंधना पासून मुक्त जावूं शकना. जो मनुष्य वस्तु, घर–दार, बायल–चेरडूंव, आप्त–बांधव, सामाजिक–धार्मिक व्यवस्था, देश, प्रदेश आनि राष्ट्रा विशय संकुचित भावना आसनासताना विश्वा बद्दल प्रेम, आस्था दाख्यता तो सर्व बंधनांतल्यान मुक्त आसून ज्ञन– विज्ञानांतु रमता, तागेले स्वकर्म यज्ञ–कर्मांतु विसर्जन जाता – ''यदृच्छलामसंतुश्टो द्वंद्वातीतो विमत्सरः । समः सिद्धावसिद्धौ च कृत्वाऽपि न निबध्यते ॥ गतसंगस्य मुक्तस्य ज्ञानावस्थ्जितोचेरसः यज्ञयाचरत्: कर्म सर्वं प्रविलीयते ॥''.

कृष्ण संसाराचि ओळख सागरावयले तरंगाचे आधारान करनुं दिता. अमृताचो परमानांद अमृताचो घोट घेतिल्यान समजता म्हण्णुं सांगता. कृष्णाले अभिप्रायान कर्म यज्ञ–कर्म म्हण्णुं करचें हें मनुष्यालें अंतिम लक्ष्य न्हंय तर अंतिम लक्ष्य प्राप्त करनुं दिवचें एक प्रभावी साधन, माध्यम आसता. अध्यात्माचे प्रवासांतु साधन, माध्यम, मार्ग अनेक आनि वेग–वेगळे आसताचि, मार्ग वयर निदर्शन करचे चिन्ह, संकेत, प्रतीक अनेक, भिन्न आनि बहुमुखी आसताचि. तरियी चिन्ह, संकेत, प्रतीक, साधन, माध्यम, मार्ग महत्वाचे न्हंय तर अंतिम लक्ष्य सूक्ष्म, अदृश्य, अत्यंतिक आनि गूढ स्वरूपाचें आशिल्यान जीवनांतु समन्वय साधनुं आत्मसात् करचें आसता. जेन्नां लक्ष्य प्राप्त जाता तेन्नां मार्गा वयले सर्व चिन्ह, संकेत, प्रतीक, साधन, माध्यम सहज, सरल गळनुं पडताचि.

मनुष्याले गुण स्वभावा वेगे–वेगळे आशिल्यान वेग–वेगळे प्रसंगांक लागून मनुष्यान योग साधचें प्रकार बदलचे पडता. कारण लक्ष्य जितलें महत्वाचें आसता तितलेंचि महत्वाचे चिन्ह, संकेत, प्रतीक, साधन, माध्यम आसताचि. कृष्णान पयलेंचि योगाचो कर्म मार्ग आनि सांख्याचो ज्ञान मार्ग दाखोवनुं दिलिले आसाचि, जे एकमेकांक विरुद्ध, विपरीत विकल्प न्हंय तर लक्ष्य प्राप्त करनुं दिवचे अनुरूपआसताचि.

अध्यात्माचे मार्गावयर प्रवास करचे सर्व मार्ग कठीण आसताचि. ते अमार्ग आळशि मनुष्यांक परवडनांचि. सकाम वासनेन कर्म करचे मनुष्यालो मार्ग कठीण आसता कारण जो पर्यंत ताका इच्छित फ़ल प्राप्त जायना तो पर्यंत तागेलें मन अस्थिर आनि असमाधानी आसता. शिवाय इच्छित फ़ल प्राप्त जालें नंतर सुद्धां तागेलें मन अधिक फ़ल प्राप्ती खातिर असंतुश्ट आसता. पुण इंद्रियसुखाचि अनिश्चितता ताका जागे किंवा सावधान करना.

जो मनुष्य कांटे लागताचि म्हण्णुं भीयेना तोचि झडा वयलें फ़ूल आनि फ़ल अनुभवचाक अधिकार प्राप्त करता. लक्ष्य स्वाभाविक शुद्ध आशिल्यान तें शुद्ध करचें आवश्यक ना; जें शुद्ध, पवित्र करचें अपेक्षित आसता तें इंद्रियांचे प्रभावाक लागून अशुद्ध जालिले माध्यम रूपान उपलब्ध शरीर, मन आनि वणी आसता. मनुष्यान शरिर, मन, वाक् जीवनाचे यज्ञकुंडांतु हवि, आहुति रूपान समर्पित केल्यार तागेलें शारीरिक सामर्थ्या बरोबर मानसिक स्थैर्य सुधृढ जावनुं परमात्माले प्रति शरणागतीचो भाव प्रसाद रूपान प्राप्त जातालो.

देकून भारतीय संस्कृतींतु यज्ञसंस्थेक अति उच्च स्थान प्रप्त करनुं दिलिलें आसा. आनि अग्नीचि उर्जाशक्ति जि सुरवातीक अदृश्य रूपान सुप्तावस्थेंतु लाकडांतु, उदकांतु आसता ती मनुष्याले धार्मिक, अध्यात्माचे प्रवासांतु आनि यज्ञ कार्यांतु ऊर्ध्वगतीचि दिशा, मार्ग दाखोवचो पुरोहित, देवांक प्रार्थना आनि आहुति पावोव्चो दूत, माध्यम म्हण्णुं आदरान संबोधन करचांतु येता. जे तरेन परमात्माले मुखार आशिल्ले दिवलींतु, ओवाळचे आरतींतु, जळोवचे तेल–तूप–कर्पूरातींतु अग्नि दिव्याचे रूपान प्रज्वलित आसता ते तरेन मनुष्यले जीवनांतु, मन, वाचा आनि श्वासांतु, करचे कर्मांतु, घालचे प्रदक्षिणेंतु, साश्टांग नमस्कारांतु दृश्य रूपान अविरत, निरंतर चैतन्य रूपान प्रकाश घालत आसता.

अध्यात्माचि गती आनि प्रगति उर्ध्वगामी आसचि अपेक्षित आसता जें तरेन अग्नीचि ज्वाला उर्ध्वगतीचें दिशेन धांवत आसता. अग्नि प्रकाश रूपान मनुष्यालें अंत:करणांतलि मांदावलेलि जिज्ञासाचि ज्योति प्रज्वलित करनुं मन, बुद्धि आनि अहंकार सयत प्रत्येक कर्म यज्ञकर्म, सर्व जीवन आनि अस्तित्व परमात्माक समर्पित जावचाक निश्चित रूपान सहाय्यक आसतालि. यज्ञ करचें म्हळयार मनुष्यान आपण्यालें भौतिक पातळिवयर करचें सर्व कर्म आनि जगचें जीवन अध्यात्मिक पातळीवयर परमात्मालें विश्व यज्ञ कार्यांतु सहयोग म्हण्णुं परमात्माकचि समर्पित करचें आसता. तेन्नां अग्नींतु कसलेंयी, करचें कर्म आनि जगचें जीवन शुद्ध, पवित्र जाता जें तरेन सुवर्ण घातल्यार तांतुतलि अशुद्धता गोबर जावनुं सुवर्ण शुद्ध, पवित्र जाता. तेचि तरेन मनुष्यालें जीवन शुद्ध, पवित्र जावनुं तागेलें चैतन्य परात्पर परमात्मांतूचि एकात्म भावनेन निश्चित रूपान संमिलित जातालें. जाका लागून प्रतीकांचे पेलतडेन आशिल्लें अंतिम लक्ष्य – परमात्मा बरोबर सालोक्य, स्राष्टि, सामीप्य, सारूप आनि सायुज्य पद मनुष्य प्राप्त करतालो.

वास्तविक स्रिश्टींतु परमात्मा एकलोचि आसता, तागेले शिवाय विंगड, अन्य कोणियीं आसनांचि. देकून जो पर्यंत मनुष्य स्रिश्टींतु अहंकाराक लागून द्वंद्व, विंगड, अन्य आनि अनेक पळयता तो पर्यंत ताका अद्वितीय, अद्वैत, एकमेव परमात्मा दिसचो ना. जें क्षण मनुष्यालो अहंकार विरघळून वता ते क्षण मनुष्याक अंत:करणांतु आशिल्लो परमात्मा दिसतालो आनि जीवात्मा–परमात्मा मदलो भेद नाश जातालो. असलें मनुष्यान प्रति दिवस, प्रति क्षण करचें प्रत्येक कर्म आसक्तीरहित यज्ञकर्म जावनुं सर्व जीवन यज्ञमय, ब्रह्ममय जातालें. तागेलो यज्ञ, हवनांतलि अग्नि, आहुति, हवन, हवन करचो यजमान, मंत्र उद्घोष करचो ब्राह्मण, श्वास घेतालो, श्वास सोडतालो, खातालो, पितालो, बसतालो, उठतालो, भजन करचो जीवात्मा आनि भजचांतु येवचो परमात्मा, उलयिले, आयकलिलें, पळयिलें, केलिलें कर्म, भूत काळांतु आशिल्लें, वर्तमान कळांतु जें आसा आनि भविष्य काळांतु जें आसतालें तें सर्व ब्रह्ममय आसजाता – ''ब्रह्मार्पणं ब्रह्म हविर्ब्रह्माग्नौ ब्रह्मणाहुतम् । ब्रह्मैव तेन गंतव्यं ब्रह्मकर्मसमाधिना ॥''.

ब्रह्म हे शब्दाचो अर्थ विस्तारित जावचें व्यापक जावचें म्हण्णुं आशिल्यान तागेलो द्रीश्टीकोण विस्तार आनि व्यापक जाता. भायर भितर अशें कांयि आसचें ना, बीयेंतु सस्य आसता, सस्यांतु वृक्ष आसता, वृक्षांतु फ़ूल, फ़ूलांतु फ़ल, फ़लांतु असंख्य बीयो आसताचि. परत एक चक्रा तरेन बीयेक अंकुर येवनुं सस्यरूपान सृजन जाता, सस्य झाडांतु परिवर्तन जाता, झाड फ़ुलता, स्वच्छंद फ़लता, वारो सुळसुळता, नदी झरझर व्हांवता, मोड आकाशांतु पसरता. कसलेयी इच्छा, कामना संकल्प करचें पडना, श्रम घेवचें, कश्ट घेवचें पडना, जशें कांय सर्व ब्रह्म करता, करोवनुं घेता. सर्व सहज घडता, घडोवनुं घेवचांतु येता, जशें कांय घडत आयाल्यां, जशें कांय घडत आसता, जशें कांय घडत आसतालें. जें तरेन नदी सागारांतु मेळिल्यान नदी खंयचि आनि सागर खंयचो म्हण्णु सांगचें शक्य जायना, तें तरेन थंय सुरवात आसाना अंतर असना, जीवात्मा खंयचो परमात्मा खंयचो म्हण्णुं समजचाक येना. तेन्नां शरीरांतु आत्मान आगमन केलें म्हण्णुं हर्ष जावचो ना; शरीरांतल्यान आत्मा निर्गमन जालो म्हण्णुं दु:ख जावचें ना. कारण आगमन आनि निर्गमन परमात्माक लागून आसता. कारण जें मूळांतूचि सर्व ब्रह्ममय आसता तें सर्व सर्व ब्रह्ममय जालिलें आसा म्हण्णुं अनुभवचांतु येता. मनांतु चिंता, भय, असुरक्षता अनुभवत नासताना मनुष्य निर्विशय, निश्चिंत आसाता.

कृष्ण सांगता किं यज्ञाचे अनेक पैलू आसताचि. थोडे जन यज्ञ–कर्म भजन, कीर्तन, पूजन करनुं पूर्णाहुति दिताचि. अन्य जन स्वाध्यायान नियम–यम आचरण करनुं, थोडे जन जप–तप, श्रवण, मनन, ध्यान, धारणा करत अग्नीक परब्रह्म परमात्मालें रूप म्हण्णुं माननुं यज्ञकुंडांतु ज्ञान–विज्ञान हवी रूपान समर्पण करताचि – ''दैवमेवापरे यज्ञं योगिन: पर्युपासते । ब्रह्माग्नावपरे यज्ञं यज्ञेनैवोपजुह्वति ॥''. अन्य जन दोळे, कान, नांक इत्यादि इंद्रियां वयर संयम दवरनुं पूजा–पाठ, भजन–कीर्तन, जप–तप करताना शब्द, स्पर्श, गंध, रसादि विषय

हविरूपान समर्पित करताचि – ''श्रोत्रादीनींद्रियाण्यन्ये संयमाग्निषु जुह्वति । शब्दादीन्विषयानन्य इंद्रियाग्निषु जुह्वति ॥''.

इंद्रियां वयर संयम दवरचें म्हळयार इंद्रियांचो उपभोग घेवचे पासून निवृत्त जावचें मात्र न्हंय तर इंद्रियांचो उपयोग योग्य तरेन करचो आसता. भोग अयोग्य रितीन घेतिल्यान मनुष्य इंद्रियांचो दास जाता, भोग योग्य रितीन उपयोजनेंतु हाडल्यार मनुष्य इंद्रियां वयर प्रभुत्व गाजयता. थोंडे जन माध्यम रूपान साक्षात्काराचे प्रक्रियेन भायर श्रवण, मनन, ध्यान केलिलो प्रवास प्राणायमाचे प्रक्रियेन भितर अंत:करणांतु आत्मज्योत प्रज्वलित करताचि – ''सर्वांद्रियाणि प्राणकर्माणि चापरे । आत्मसंयमयोगाग्नौ जुह्वति ज्ञानदीपिते ॥''. ताका लागून जें कर्म करचांतु येता तें शरीर, कर्मेंद्रिय आनि ज्ञानेंद्रियांचे पेलतडेचें स्वतंत्र आनि अबाधित अध्यात्मिक मनाक अंकुर जावचाक अवसर दिता. हे तरेन इंद्रियांचे उपभोगांतल्यान प्राप्त जावचे फ़ल न्हंय तर इंद्रियांकचि समर्पण करताचि. थोंडे जन परमात्मालें नाम स्मरण करत स्व–श्रमान कमयिलें धन–धान्य, द्रव्य–ऐश्वर्य लोक कल्याणाखातिर वापरतावि तर अन्य जन स्वधर्म पालन करत जप–तपाचे मुखांतर यज्ञ–कर्म करताचि. थोंडे जन भगवत्प्राप्ति खातिर अश्टांग रूपी यज्ञ करताचि तर आन्य जन जप यज्ञ करताचि – ''द्रव्ययज्ञास्तपोयज्ञा योगयज्ञास्तथाऽपते । स्वध्यायायज्ञानयज्ञाश्च यतय: संशितव्रता: ॥''.

उपनिषदेंतु निष्ठून सांगल्यां किं जो ज्येष्ठ आनि श्रेष्ठ जाणता तो ज्येष्ठ आनि श्रेष्ठ जाता. वास्तविक प्राण सर्वांतु ज्येष्ठ आनि श्रेष्ठ जावनुं आसा – ''यो ह वै ज्येष्ठं च श्रेष्ठं च वेद ज्येष्ठश्च ह वै श्रेष्ठश्च भवति प्राणो वाव ज्येष्ठश्च श्रेष्ठश्च ॥''. देकून योग साधनेंतु प्राणायामक महत्व दिलिलें आसा. प्राणायाम म्हळयार प्राणावयर दवरचें नियंत्रण. प्राणवायु भितर–भायर घेवचे प्रक्रियेक प्राण, भायर सोडचे प्रक्रियेक अपान, भितर–भितर फ़िरत आसचे प्रक्रियेक व्यान, सकयल–वयर समन्वय साधचे प्रक्रियेक समान आनि वयर घेवनुं स्थिर जावचे प्रक्रियेक उदान म्हणताचि. प्राणवायु आनि विचारां मदलो संबंध म्हळयार संसार आसता. जेन्नां प्राणवायु प्रवाहित जायत आसता तेन्नां मन संसारांतु द्वंद्व अनुभवता.

प्राणायाम अध्यात्म जीवनांतले एक गूढ शास्त्र आनि अलौकिक माध्यम जावनुं आसा. मनावयर नियंत्रण आनि संयम दवरनुं लक्ष्य प्राप्त कारनुं घेवचाक प्राणायम एक महत्वाचि प्रक्रिया जावनुं आसा. जो पर्यंत श्वासोच्छवास प्राणवायूक गति दिता तो पर्यंत जीवनांतु चैतन्य सृजनशील आसता. जेन्नां मन अचल–विचल जाता तेन्नां श्वासाचो वेग बदलत तीव्र जाता. जेन्नां मन शांत, स्थिर, चित्त प्रसन्न आसता तेन्नां श्वासाचो वेग शांत जावनुं स्थिरावता, जशें कांय श्वास चलत आसा किं ना. जेन्नां प्राणवायु प्रवाहित जायत नासताना स्तब्ध आसता तेन्नं मन संसाराचे पेलतडेन आशिल्लें निर्द्वंद्व अनुभवता आनि जशें झाडाचे पान, फ़ुलाचि पाकळी वार्याचे स्पर्शान हगूर हगूर सकयल पडता, तशें तशें मनांतले भूतकाळा पासून संग्रहित जालिले विचार मनांतल्यान गळनुं पडताचि. हे तरेन प्राणायम उपयोजनेंतु हाडनुं केलिलिं सर्व कर्म परमात्माले चरणांतु समर्पण केल्यार प्रज्वलित जालिलि आत्मज्योत यज्ञकुंडांतले अग्नीचे प्रज्वलित ज्योतींतु समर्पित केलिले तरेन जातालि. जे तरेन फ़ूल समर्पण करताना साधक फ़ुलाचो रंग, रूप आनि सुगंध समर्पित करता ते तरेन साधक आपण्याले कर्म परमात्माक समर्पण करताना आपण्याले तन–मन–इंद्रियांकबि समर्पण करता. तशें करचें इंद्रियं आनि विशय हांतूतलो संबध नश्ट करचो साधनेंतलो मुख्य उद्देश आसता. दुसरे साधक धन–संपत्ती, तप आनि तापत्रय, अश्टांग योग आनि वेदसंहिता आनि ताजे षडंगाचे ज्ञान समर्पण करताचि. हे साधकांलो प्रात्यक्षिक रूप ज्ञान पूर्वक केलिले भक्तींतु अभिव्यक्त जाता. आनि ते मनांतु परमात्मालो प्रवेश जावनुं नव चैतन्य सृजन जाता. तेन्नां जीवात्मा अपण्याले सीमित अशें दिसचे अस्तित्व परमात्मालें असीमित, विराट आनि सर्वव्यापी अस्तित्वांतु विलीन जालिलें आसता. देकून ज्ञानी जन अध्यात्माचि प्रगति प्राणाचे गतीवयर अवलंबून थोंडे जन अपान वायूंतु प्राणवायु आनि प्राणवायूंतु अपान वायु नियंत्रित करनुं प्राणायम करताचि – ''अपाने जुव्हति प्राणं प्राणेऽपानं तथाऽपरे । प्राणापानगती रुध्वा प्राणायाममरयणो ॥''.

जो मनुष्य असले व्यापक भावनेन वा अविष्कारान प्रभावित जाता तागेले अंत:करणांतु कुतूहल अंकुर पावनुं उर्जा–शक्ति उसळून तितीक्षेंति परिवर्तन जाता. परिवर्तन जालिलें मन तीक्ष्ण आनि अंत:करण संवेदशील जालिल्यान ताका परमात्माले सत्य स्वरूपाचो साक्षात्कार जाता. सामान्य मनुष्याले जीवनांतु 'हांव' आनि 'तूं', 'मेगेलें' आनि 'तुगेलें' असले संकुचित भ्रांत भाव निर्माण जायत आसताचि – ''भ्रमेणाहं भ्रम्ण त्वं भ्रमेणोपासका जना: । भ्रमेणेश्वरभावत्वं भ्रममूलमिदं जगत् ॥ . पुण साक्षात्कार जालिल्यान भ्रम विचार मनांतु उठचे नाशिल्यान परमात्मालें व्यापक अस्तित्व सर्व दिशेन पसरतालें. ताका लागून केलिलें सर्व कर्म यज्ञमय जावनुं स्वत: खातीर न्हंय तर लोककल्याणा खातिर समर्पित जातालें.

कठोपनिशदेंतु परमात्मा शरीराचे मदें बसून प्राणावयूक वयले दिकान आनि अपान वायूक सकयले दिकान धुंकळता म्हण्णुं सांगल्या – ''ऊर्ध्वं प्राणमुन्नयत्यपानं प्रत्यगस्यति । मध्ये वामनमासीनं विश्वे देवा उपासते ॥''. हृदायाचे एकशे एक नाडींतले ऐक नाडी वयर मस्तकाचे दिशेन वता आनि उरिले शंभर शरिराचे विंगड दिशेन पसरताचि. छंदोग्य उपनिशद सांगता किं जेन्नां अंत समय येता तेन्नां जे मनुष्यालो प्राण ते एक नाडींतल्यान भायर पडनुं तो निश्चित अमर जाता. मैत्रि उपनिशद हे नाडीचे नांव सुषुम्ना म्हण्णुं सांगून साधकान अमरत्व प्राप्त करचाक योग साधनेन तिका वयले दिशेन उत्तेजित करका म्हण्णुं सांगता. प्राण वायूचे मूळ स्रोतापासून जर सकयलचे दिशेन प्रवाहित जालें तर भौतिक विचार जागें जाताचि आनि वयरचे दिशेन प्रवाहित जाले तर अध्यात्मिक विचार सृजन जाताचि. गुण स्वभावाक लागून सर्व सामान्य मनुष्यांलो प्राणवायू अधोगतीचे दिशेन व्हांवत आशिल्यान भौतिक विचार अनियंत्रित आसताचि तर योगी जनांलो प्राणवायु ऊर्ध्वगीचे दिशेन व्हांवत आशिल्यान अध्यात्मिक विचारांन नित्य निरंतर प्रवृद्ध आसताचि.

कृष्णाले अभिप्रायान नियमित आहार सेवन करनुं आपण्यालो प्राणवायु आपण्याले प्राणांतूचि यज्ञाचे मुखांतर हवन करचे जन सर्व पाप, अवगुण नाश जालिले योगि आसताचि – ''अपरे नियताहारा: प्राणान् प्राणेशु जुव्हति । सर्वेऽप्येते यज्ञविदो यज्ञक्षपितकल्मषा: ॥''. आहार म्हळयार जें भायर आसता तें भितर घेवचें आसता. संसारांतु शरीर सांभाळचाक घेवचें जेवण, इंद्रियांचे मुखांतर घेवचे अनुभव हे सर्व एक तरेचे आहारचि आसता. आहार दोन तरेन मनुष्याक प्रभावित करताचि. आहाराक लागून मन उत्साहित जाता किंवा निरुत्साहित जायत आसता. आहारा वयर नियंत्रण दवरलें तर तामसिक आहारान जावचि हानि सात्विक आहार सेवन करनुं सात्विक गुणांन संरक्षण करनुं घेवचें साध्य जाताजें. यज्ञकुंडांतु घालचें अन्न, द्रव्य, संपत्ति मनुष्यान इंद्रियांचे मुखांतर घेवचें जेवण, देव–मानवांलो संबंध घनिष्ठ करचाक समर्पित केलिले विचार हे आहार जावनुं आसताचि. जे तरेन भौतिक पातळीवयर शरीर धर्माचें साधन जावनुं आसता ते तरेन अध्यात्मिक पातळीवयर प्राणांचे प्राणांतु हवन एक महत्वाचें माध्यम आसता. तेन्नां जो प्राणवायु भायर मनांतु स्थूल रूपान अभिव्यक्त जाता तोचि सूक्ष्म रूपान भितर अंतरात्मांतु उर्जेचे रूपान संचार जायत लक्ष्य स्वच्छ आनि गती प्रगतींतु रूपांतरित, परिवर्तन करता. जें शरीरांतु भायर फ़ूल–फ़ल रूपान अभिव्यक्त जालिलें दिसता तेंचि शरीरांतु भितर साक्षात्कार रूपान अभिप्रेत जावनुं भायर सर्वत्र पसरिले प्राणवायूचें उगमस्थान, प्रेरणा स्थान, अधिष्ठान भितर शरीरांतु बीजरूपान असता हें जाणवता. तागेले मनांतले सीमित विचारांचे सर्व तरंग शांत जावनुं तागेलें मन परमात्माले महासागरांतु, जे तरेन नदी सागरांतु मेळता ते तरेन एकरूप जाता ते तरेन एकरूप जाता. जे तरेन वृक्ष फ़ांद्यांक लागून न्हंय तर मूळाक लागून जोडिलो आसता तेचि तरेन स्रिश्टींतले प्रत्येक पसरिले घटकांक लागून न्हंय तर परमात्माक लागून जोडिले आसताचि. साधक आपण्याले लक्ष्य पूर्ण जालिल्यान ताका परमात्माले साक्षात्कारांतु अद्वैतरूप, अभिन्न अस्तित्व जाणवता – ''यज्ञशिष्टामृतभिजो यांति ब्रह्म सनातनम् । नायं लोकोऽस्त्ययज्ञस्य कुतोऽन्यो कुरुसत्तम ॥''. हे तरेन यज्ञकर्म करचो मनुष्य कर्म मार्ग स्वीकारनुं आपण्याले इंद्रियां वयर संयम दवरनुं आपण्याले कर्म यज्ञकुंडांतु अर्पण करता, जाका लागून जीवात्मा आनि परमात्मा मदलें अंतर कमीं जावनुं प्राणवायूचे सर्व स्थित्यंतर नामशेष जाताचि.

परमात्मले प्राप्तीक अनेक द्वार उघड, अनेक मार्ग उपल्ब्ध आसताचि, जे वेदांतले गूढ रहस्य आत्मसात् केलिले ज्ञानू मनुष्यांक खबर् आसताचि – ''एवं बहुविधा यज्ञ वितता ब्रह्मणो मुखे । कर्मजान्विद्धि तान्सर्वानेवं ज्ञात्वा विमोक्षसे ॥''. संसारांतु वासना, आशा, आकांक्षेन केलिलिं कर्म ओल्ले लाकडा तरेन जळचाक कठीण आसताचि. संसारांतु वासना, आशा, आकांक्षेचे अपेक्षा नासताना अनासक्त भावनेन केलिलें कर्म सुकिल्ले लाकडां तरेन प्रज्वलित जावनुं आनि प्रभावित जायत प्रकाश सर्वत्र पसरायत भस्मीभूत जाताचि. ज्ञानाक वासना, आशा, आकांक्षा ना, मोक्षाचि अपेक्षा सुद्धां ना. कारण अपेक्षा सुद्धां एक बंधन निर्माण करू शकता. परमात्मालि अपेक्षा करचि म्हळयार परमात्माक बांधून दवरचे तशें जातालें. केलिलिं सर्व कर्म परमात्माले चरणांतु समर्पित जालिल्यान स्वर्गाचे द्वार उघडता.

परमात्मा सदा मुक्त आसता, देकून ताका बांधून दवरचे अशक्य आसा. सर्व साधारण परमात्माक शोधचो साधक आपण्याले गुण स्वभावाक अनुरूप परमात्मालें रूप येवजून गुरून सांगिल्ले तरेन शास्त्र संमत विधि–नियमांक अनुसरून क्रिया–कर्म, पूजा–पाठ, अर्चना–याचना, जप–तप, नाम स्मरण–तत्व चिंतन, ध्यान–धारण करत ज्ञान–विज्ञान, मंत्र–तंत्र प्राप्त करता – ''तस्मै स विद्वानुपसन्नाय संप्रक्षांतचित्तय शमन्विताय । येनाक्षरं पुरुषं वेद सत्यं प्रोवाच तं तत्वतो ब्रह्मविद्याम्॥''.

कृष्णाले अभिप्रायान संसारांतु मनुष्यान द्रव्य आनि इतर स्थूल वस्तु आहुति दीवनुं केलिले यज्ञकर्मा पेक्षा ज्ञान–विज्नन आहुति दीवनुं केलिलो सूक्ष्म ज्ञान–यज्ञ जास्त श्रेष्ठ आसता – ''श्रेयान् द्रव्यमयाद्यज्ञात् ज्ञानयज्ञ: परंतप । सर्वं कर्माखिलं पार्थ ज्ञाने परिसमाप्यते ॥''. परमात्माक साधचे ज्ञानी मनुष्याक शब्द वापरचें आवश्यक ना. कारण परमात्मा म्हळयार एक व्यक्ति न्हंय तर भूत काळांतले सर्व इंद्रियान प्रभावित जालिले वासना, विचार, संस्कारान आनि भविष्यांतले सर्व आशा, आकांक्षा स्वप्नांचान प्रभावित जाय नासाताना निर्धूम जळचे ज्योति तरेन प्रज्वलित जायत मौनांतल्यान प्राप्त जावचो एक स्वच्छ, निर्मल, अलौकिक अनुभव आसता. मौनांतल्यान म्हळयार स्वत:चे आत्मांतु उत्तेजित, उद्विग्न जायनासताना अकंप अवस्थेंतु अनुभवचो परमानंद आसता. ''उच्चारेंविणा जे शब्द । ते जाणावे सहज शब्द । प्रत्यया येति परंतु नाद । काहींच नाहहीं ॥'' आनि ''तेथें शब्देविण ऐक्यता । अनुभव ना अनुभविता । ऐसा तो निवांत तो मागता ... ।'' म्हण्णुं स्वामी रामदास मौनाचि व्याख्या करताचि.

विभक्त जालिले भक्तालि अविभक्त परामात्माके विशय आनि शास्त्र आनि आचार्या वयर आसचो विश्वास पयलि पायरी आसून तो विश्वास अंत:करणांतु श्रद्धेचे रूपान परिवर्तन जावनुं परिपूर्ण सभक्त जावचें हे अखेरचें लक्ष्य आसता. श्रद्धा म्हळयर विश्वास न्हंय. विश्वास नासल्यार विश्वास प्राप्त करनुं घेवचें शक्य आसता, विश्वास मनान दिवचि मान्यता. अविश्वासी मनुष्याक विश्वासान मनाचो समाधान मेळता, अंत:करणांतलि श्रद्धा न्हंय. जेन्नां जें सांगाचांतु येता, आयकुवचांतु येता तें निर्विशय, निष्कपट आनि अनियंत्रितेन अंत:करणापासून स्वीकारचांतु येता तेन्नां तें मन आनि अंत:करण श्रद्धावान आसता म्हणका. श्रद्धा अंत:करणांतु अवतरले शिवाय मनुष्य श्रद्धावान जावचो ना. श्रद्धा अंत:करणांतलो अनुभव, आसचाक जाय, देकून प्राप्त करनुं घेवचाक जायना.

जे तरेन भक्ति करचि नासता पुण संभवता, तेचि तरेन श्रद्धा मेळोवचांतु येना, ति सहज अवतरता. श्रद्धावान स्वभावाचें एक लक्षण आसा. श्रद्धा तेचि मनुष्याले मनांतु अवतरता जे मनुष्यालें मन इंद्रियांक लागून निर्माण जालिले विचार, आचार, संस्कारा पासून प्रभावित ना. श्रद्धा आंतिम चरण आशिल्यान तें प्राप्त जाले किं सर्व जिज्ञासा बंद जाता, सर्व संदेह गळनुं पडताचि. जाणचें कांयि उरना. सर्व जाणिलें आसता.

तैत्तिरीय उपनिषद – ''अथादिलोकम् । पृथिवी पूर्वरूपम् । द्यौरुत्तररूपम् । आकाश: संधि: ॥ ... अथादिविद्यम् । आचार्य: पूर्वरूपम् । अंते वास्युरुत्तररूपम् । विद्या संधि: । प्रवचनं संधानम् ॥'' म्हण्णुं निवेदन करनुं गुरु शिश्यांलो संबंध दाखयता. जेन्नां मनुष्यान गुरूले वयर दवरिलो विश्वास श्रद्धेंतु परिवर्तन जावनुं तो

अज्ञानाचे अंध:कारांतल्यान ज्ञान प्रकाशाचे मौनावस्थेंतु येता तेन्नां तो जीवनांतलें स्वास्थ्य, संसारांतले बंधनांतल्यान मुक्त जाता –''श्रद्धावांलभते ज्ञानं तत्परः संयतेंद्रियः । ज्ञान लब्ध्वा परां शांतिमचिरेनाधिगच्चति ॥'.

देकून कृष्ण अर्जुनाक गुरुलागीं वचून ज्ञान प्राप्त करनुं घेवचाक सांगता – ''तद्विधि प्रणिपातेन परिप्रश्नेन सेवया । उपदेक्ष्यंति ते ज्ञानं ज्ञानिस्तत्त्वदर्शिनः ॥''. कारण तशें केलिल्यान तो मोहग्रस्त केन्नांयी जावचो ना – ''यत् ज्ञात्वा न पुनर्मोहमेवं यास्यसि पांडव । येन भूतान्यशेषेण द्रक्ष्यस्यात्मन्यो मयि ॥''. गुरु म्हळयार शास्त्रांतु  ज्ञान जाणचो शिक्षक न्हंय तर शास्त्रांतले विज्ञान अनुभविलो विद्वान् आचार्य, तत्वदर्शी आसता. ज्ञानी मनुष्य केवल सत् पथावयर चलचो मार्ग दाखयता तर परिपूर्ण विद्वान् आचार्य सत् पथा वयर प्रकाशाचि ज्योत प्रज्वलित करनुं सर्व संदेह आत्मविश्वासान समूळ नाश करता. देकून जर दाखयले दिशेन वाट चलत, सूचित केलिले साधना स्वीकारता तर साधकाक आत्माज्ञान निश्चित प्राप्त जातालें.

श्री सुरेश्वराचार्यांनि श्री शंकराचार्यांले दक्षिणमूर्ति स्तोत्रा वयर केलिलो वार्तिकेंतु सांगाल्यां किं श्रुति, आचार्यालो उपदेश, योगाभ्यास आनि परमात्माले अनुग्रहाक लागून आत्मज्ञान प्राप्त जाता – ''श्रुत्याचार्यप्रसादेन योगाभ्यासवशेन च । ईश्वरानुग्रहेण अपि स्वात्मबोधो यदा भवेत् ॥'' म्हण्णुं सांगून अखेरिक आश्वासन दिलिलें आसा – ''यस्य देवे परा भक्तिर्यथा देवे तथा गुरौ । तस्यैते कथिता ह्यर्थाः प्रकाशंते माहत्मनः ॥''. कृष्ण म्हणता किं जो परमात्मा विशय ज्ञान प्राप्त करता तो संभ्रमांतु पडचो ना आनि ज्ञान प्राप्त करनुं अपण्याले चैतन्यमय जालिले अंत:करणांतु पयलें सर्व भूतजातीक आनि मागिर परमात्माक पळयता – ''यत् ज्ञात्वा न पुनर्मोहमेवं यास्यसि पंडव । येन भूतन्यशेषेण द्रक्षस्यामन्मथो मयि ॥''. इंद्रियांवयर नियंत्रण दवरनुं श्रद्धावान जावनुं मनुष्यालें मन उघड आशिल्लो शिवाय ज्ञान प्राप्त जावचें ना.

कृष्ण अर्जुनाक सावधान करता किं जे मनुष्याले मन अज्ञान आनि संशयान भरिलें आसा तागेलें मन आनि व्यक्तित्व नि:संशय विनाशाचे कारण जावनुं ताका इहलोकांतु किंवा परलोकांतु सुख मेळचें ना – ''अज्ञश्चाश्रद्दधानश्च संशयात्मा विनश्यति । नायं लोकोऽस्ति न परो न सुखं संशयात्मनः ॥''. सृजन जावचाक निर्णय करचि शक्ति जाय, जाका लागून सर्व संशय, संदेह मनांतल्यान समूळ नाश जातालें. निर्णय मनुष्याकचि घेवचो आसता, घेतले तर मनांतले संशय नाश जाले शिवाय उरचे नांचि. जगांतु विसर्जन सुलभ रितीन संभवता. जो मनुष्य अहंकाराचे शिखरावयर उभो आशिल्यान मनांतु संदेह आनि संशय आसा ते मनुष्यालें मन श्रद्धावान आसचें ना. पुण जे मनुष्याक केलिले कर्माचो, प्राप्त जालिले ज्ञानाचो अहंकार ना तागेले मनावयर बंधन नाशिल्यान तो विनम्र आसता, अंत:करण शुद्ध, श्रद्धावान आशिल्यान भक्ति भावना प्रवेश करचाक अवसर मेळनुं परमात्मापासून नि:शंक सृजन जाता. कृष्ण अर्जुनाक समत्व योग आत्मसात् करनुं अज्ञानाचे बंधन ज्ञानाचे शस्त्रान नाश करचाक धृढ निश्चय कर म्हण्णुं सांगता – ''तस्मादज्ञानसंभूतं हृत्स्थं ज्ञानासानाऽत्मनः । छित्त्वैनं संशयं योगमातिष्ठोत्तिष्ठ भारत ॥''. ज्ञानाक लागून मेळिलें सुख जीवन उत्साहित करता, वासनेक लागून भ्रश्ट जालिलें सुख अशुद्ध, निरुत्साहित करता, दु:ख दिता. अशुद्ध सुख अपवित्र, अशांत, असंतुश्ट आसता. असंतुश्ट जीवनांतु परमात्मा केन्नांयी प्रवेश करचो ना. जेन्ना मनुष्याले जीवन शुद्ध, पवित्र, शांत, संतुश्ट, श्रद्धावान् आसता तेन्ना मनुष्य बरें–वायट, श्रेय–प्रेय, सुख–दु:ख असले द्वंद्व, द्वैत, विकल्प विचारान उत्तेजित जाय नासताना निर्द्वंद्व, अद्वैत संकल्पान प्रभावित जालिल्यान परमात्माक प्रवेश सरळ, सहज निश्चित करता.

परमात्मा ज्ञानस्वरूप आशिल्यान जे मनुष्य पळयता, आयकता, उलयता, तें सर्व ज्ञानस्वरूप आसता. देकून स्वत:चे शरीरांतु आसचे आत्माचें सुख परमात्माले सत्–चित्–आनंद सादृश्य आशिल्यान तें लक्ष्य करनुं अनुभवल्यार ताणें जरि सहस्र पापं केलिलीं आसल्यारियी ती सर्व ज्ञानाग्नींतु भस्म जाताचि – ''तस्मादज्ञानसंभूतं हृत्स्थं ज्ञानासिनाऽऽत्मनः । छित्वैनं संशयं योगमातिष्ठोत्तिष्ठ भारत ॥ ॥''.

ooooo



# *अध्याय पांचवो*
# *संन्यास योग*

पूर्वकाळांतु सात्विक गुण स्वभावान नर ऋशीलें रूपान नारायणालें सहवासांतु बदरि क्षेत्रांतु तप करचो ज्ञानी योगी आसल्यारियी द्वापर युगांतु अर्जुन राजसिक गुण स्वभावान जन्माक अयिलो कर्मयोगी आशिल्यान ताका सांख्य योग आनि कर्म योग – हे एकमेकांक विपरीत आनि विसंगत अशें दिसचे मार्ग दाखोवनुं कृष्ण भ्रमांतु घालता म्हण्णुं अरोप करता. सर्व साधारणतः भ्रांत मनस्थितींतु आशिल्लो मनुष्य कसलेयी श्रम, कश्ट घेतलें शिवाय कोणांलो तरी आधार घेवनुं निश्चित निर्णया पासून दूर आसता. अर्जुन ताका अपवाद नाशिल्लो. अध्यात्माचे ज्ञान विज्ञनान अजून सक्षम जावनुं स्वतः विचार करनुं स्वतः निर्णय घेवचे अनुकूल मानस्थितींतु नाशिल्यान तोकृष्णाक एक निश्चित मार्ग दाखोवचाक सांगता – ''संन्यासं कर्मणां कृष्ण पुनर्योगं च शंससि । यच्छ्रेयं एतयोरेकं तन्मे ब्रूहि सुनिश्चितम् ॥''.

ध्यानांतु आसचाक जायकिं जेन्नां पक्षीलें पील अंड्यांतल्यान भायर येता, तेन्नां उडचाक निरभ्र, विशाल, विराट आकाश असता आनि पिलाले लागीं पंख आसाताचि. पुण आवय ते नवजात पक्षीन निरभ्र, विशाल, विराट आकाशांतु उडचाक जाय म्हण्णुं आपण्याले पंख वापरना किंवा नवजात पक्षीलें पंखांतु शक्ति ना म्हण्णुं आपण्यालें पंखावयर बसोवनुं ताका निरभ्र, विशाल, विराट आकाश दाखयना. आकाश नवजात पक्षीक पोळोवचो आसा, पोळोवचाक ते नवजात पक्षीन उडनु स्वतः पोळोवचाका जाय. देकून आवय ते नवजात पिलाक योग्य जेवण–खाण दीवनुं तागेलें पंख सुधृढ करता, निरभ्र आनि विशाल आकाशाचें वर्णन करनुं पिलालो उत्साह वाढयत धैर्य दिता. पंख सुधृढ जालें, उड्चाक स्थैर्य, धैर्य आयलें किं पिलाक आवय पर्वताचे काठावयर व्हरनुं पसरिलो आकाश दाखयत उडचाक स्फूर्त दीत सावकाश एक ल्हानसो धक्को दीवनुं धुंकुळता. पक्षी घाबरता, काळीज तडफ़डता, पंख फ़डफ़डायता आनि पळय पळय म्हणें पर्यंत पंख पसरनुं निरभ्र, विशाल आकाशांतु झेप घेवनुं स्वच्छंद दूर दूर उडत वाता.

अर्जुन पूर्वकाळांतु ज्ञानी ऋशि आशिल्लें तरियि वर्तमान जन्मांतु क्षत्रिय म्हण्णुं जन्माक आयिल्यान तागेलि अध्यात्मिक पातळीवयरचि स्थिति अंड्यांतल्यान नव्यान जन्माक आयिले पक्षीलें पिला तरेन आसा. कृष्ण पांडवांलो विश्वासु, मित्र, हितचिंतक आशिल्यान अर्जुनालें सर्व संदेह समूळ उपटून काडचें दायित्व ताणें स्वीकारिलें आसता. जर कृष्णान विचार करनुं अर्जुनाक निर्णय दिलो तर अर्जुन विश्वासान कदाचित् स्वीकारतालो. पुण कृष्ण आतां पांडवांलो गुरु, मार्गदर्शक म्हण्णुं अध्यात्मिक द्रिश्टिकोणांतल्यान गुरूलें भूमिकेवयल्यान अर्जुनालें प्रश्न्यांचे निरसन करत आशिल्यान अर्जुनाक कृष्णालें वयर विश्वास आसल्यार पर्याप्त ना, कृष्णालें वयर श्रद्धा आसचाक जाय. कारण अंतःकरणांतु अंश रूपान आशिल्लि परमात्मालें सृजन शक्तीचें अस्तित्व अर्जुन जाणना पुण कृष्ण जाणता. श्रद्धा आसल्यार कृष्णान दिलिलें स्पश्टीकरण सरळ, सुलभ समजचांतु येतालें.

गुरु दिशा दाखयता, तर्क–वितर्क, वाद–विवाद करनुं मनाक पटचें, अंतःकरणाक समाधान दीवनुं सांत्वन करना. साधक शिष्य जावचाक तयार आसता तर गुरु मार्ग दाखोवचाक, मार्ग चलचाक, लक्ष्य शोधचाक, मोक्ष प्राप्त जावचाक शिष्याक मदत करता. पुण मार्ग चलचें, लक्ष्य शोधचें, लक्ष्य साधचें शिष्याकचि आसता. जर शिष्य स्वतः मार्ग चलचो ना, लक्ष्य शोधचो ना तर साधकालो मनांतालो संभ्रम पूर्ण विसर्जन जावचो ना. गुरु मार्ग चलना, लक्ष्य मेळोवनुं दीना. मार्ग साधकाक चलचें पडता, लक्ष्य साधकाक स्वतः कश्टान, प्रयत्नान, तपान, कौशल्यान मेळोवचें आसता. गुरु कांयी करुं शकचो ना. कारण प्रश्ने साधकाले आसाचि, गुरूले न्हंय.

साधक जर स्वतः कश्ट, प्रयत्न, तप करचाक तयार आसा तर गुरु साधकाक योग्य साधन प्राप्त करनुं दीवनुं, योग्य मार्ग दाखोवनुं, तागेलि शक्ति, क्षमता वाढोवनुं स्वतः विचार करनुं स्वतःचो निर्णय घेवचाक, अध्यात्माचो मार्ग स्वतः चलचाक मदत करता. भितर आशिल्लि चैतन्य शक्तीचि ओळख करनुं दिवचाक, ओळखुवचाक जें ज्ञान आवश्यक आसता तें ज्ञान उपलब्ध करनुं दीवनुं विकसित जावचाक गुरु साधकाक अवकाश दिता. साधकालि चैतन्य शक्ति जागृत जालिल्यान गुरु साधकाक क्षणान–क्षण, पावूल–पावलान प्रोत्साहन आनि जाय तें सर्व उपलब्ध करनुं दीवनुं शिश्यालो भौतिक पातळीवयर ज्ञान–विज्ञनान सक्षम जालिलो निर्धार ताक अध्यात्मिक पातळीवयर झेप घेवचाक पूर्ण तरेन सक्षम करता. आखेरचो क्षण आयलो किं साधकाक ज्ञान–विज्ञानाचें लक्ष्य, परमात्माले अनंत, विशाल परमानंदाचो अनुभव निस्चित प्राप्त जाता.

मोहाक लागून अर्जुनाले अस्थिर जालिले मनांतु असुसंगत प्रश्ने उठचे पोळोवनुं कृष्ण समय, संदर्भ, क्षमता लक्ष्यांतु घेवनुं तागेले मनांतु पयलें कुतूहल निर्माण करनुं नंतर विचारिले प्रश्न्यांचे उत्तर अध्यात्मिक पातळीवयर दीवनुं योग्य दिशा दाखोवचाक प्रयत्न करत आसा. अर्जुन जाणना पुण कृष्ण जाणता किं अध्यात्म ज्ञान सीमित शब्दांतु सांगचाक जायना. देकून संन्यास योगाचें विवरण विस्तारान करनुं दिवचें पयलें कृष्ण स्पश्ट करता किं कर्म संन्यास आनि कर्म योग दोन्निंयि श्रेयस्कर आसाचि पुण तांतूत संन्यासा पेक्षा कर्मयोग अर्जुनाले क्षत्र गुण स्वभावाक जास्त अनुरूप आनि श्रेयस्कर आसा – ''संन्यासः कर्मयोगाश्च निःश्रेयसकरावुभौ । तयोस्तु कर्मसंन्यासात्कर्मयोगो विशिष्यते ॥''.

साधारण मनुष्य परामात्माक आपण्याले पासून वेगळो म्हण्णुं माननुं परमात्माक आपण्याले भायर पसरिले आकाशांतु, नदींतु, पर्वतांतु, पाथरांतु, मूर्तींतु स्रिश्टींतु प्रभावित जालिले आकृति किंवा विकृतींतु पळयत, बरें–वायट, शुद्ध–अशुद्ध, पुण्य–पाप असले द्वंद्व आनि द्वंद्वांतलो विरोधाभासाचे अनुभवत पूजा–पाठ, मंत्र–तंत्र, अर्चना–याचना असले बहिर्मुख माध्यम, साधनेंतु घुटमळत आसता. सर्व साधारण मनुष्य परमात्माक आअपण्याले अवष्यकतेक अनुसरून वेंचून–वेंचून स्वीकारता. कारण विषय, वस्तूंचे आकारांचे आकर्शणाक लागून वेंचचें सरळ आनि सुलभ आसता. पुण विषय, वस्तूंचे आकर्शणांचे पेलतडेन वचून निराकार स्वीकारचें कठीण आसता. देकून कृष्ण परमात्माले भुमीकेवयल्यान सांगता किं तो एक आकाराना सीमित ना तर स्रिश्टींतु जें कांय आसा – आकाश, पृथिवि, प्रकाश, काळोख, जन्म, मरण ते सर्वांचे पेलतडेन अव्याकृत आसचे अस्तित्वा तरेन असीम आसा. देकून मनुष्यान वेंचून–वेंचून एक आकार स्वीकारचें आनि दुसरें अस्वीकार करचें हें अज्ञानाचें लक्षण जावनुं आसा. देकून जो मनुष्य हे द्वंद्वा मदलें आवकाशांतु परमात्माले अव्याकृत निराकार अस्तित्वाचें सत्य अनुभवता तो विश्वांतले वस्तु–पदार्थांतले आकृति वा विकृत असले द्वंद्व, परस्पर विरोध पळय ना तर तागेलें निर्द्वंद्व अद्वितीय एकमात्र अस्तित्व स्वीकारता. जो मनुष्य कसलेंयि स्वीकार किंवा अस्वीकार करत नासताना जीवन जगता तो निश्चयान नित्य संन्यासी जावनुं असून नित्य तृप्त आसून सुख–दुःखाचे पेलतडेन आसता – ''ज्ञेयः स नित्यसंन्यासी यो न द्वेश्टी न कांक्षति । निर्द्वंद्वो हो महाबाहो सुखं बंधात् प्रमुच्यते ॥''. ''गतको भुलना । प्राप्तवको तजना । मेरु–सा स्थिर होना । अंतरमें ॥ मैं मेरा ऐसा सब स्मरण । भूला जिसका अंतःकरण । उसीको तू संन्यासी जान । निरंतर ॥ .. आग जब बुझ जाती । केवल राख तहती । कपास भी लपेटती । वैसे ही ॥'' (ज्ञानेश्वर).

अर्जुन अजून मोहांतल्यान मुक्त जालिलो नाशिल्यान अज्ञानाक लागून द्वंद्व पळयता. कृष्ण ताका सांगता किं जे जन सांख्य योग आनि कर्म योग एक मेकांपासून भिन्न आसाचि म्हण्णुं समजताचि ते अज्ञानी मनुष्य आसताचि – ''सांख्ययोगौ पृथग्वाला: प्रवदंति न पंडिता: । एकमफ्यास्थित: सम्यगौभयोर्विंदते फ़लम् ॥''. सांख्य योग आनि कर्म योग हे एकमेकां विपरीत मार्ग नांचि किंवा कर्म मार्गान करचें कर्म आनि सांख्य मार्गान प्राप्त जावचे ज्ञान हे वेग–वेगळें आसना. दोन्निंयी परम श्रेय मेळोवनुं दिवचे मार्ग आसून यात्रा खंयचान सुरु केल्यारियी, खंयचोयी मार्ग स्वीकारल्यारियी स्वत:चे अंत:करणांतलि उर्जा धृढ निश्चय, साहस करनुं ज्वलंत दवरल्यार साधकाक जें स्थान कर्म केलिल्यान प्राप्त करता तेंचि स्थान ज्ञान संपादन करनुं निर्द्वंद्व अवस्था प्राप्त करता – ''यत्सांख्यै प्राप्यते स्थानं तद्योगैरपि गम्यते । एकं सांख्यं च योगं च य: पश्यति स पश्यति ॥''.

सर्वांक दोळे आसताचि पुण द्रिश्टि आसना. देकून थोडेचि जन पळयताचि पुण जें तांका पोळोवचें आसता तें पळय नाशिल्यान जें पोळोवचाक जाय तें तांका दीसना. जो जें ना किंवा तें आसचे संभव ना तें आसता म्हण्णुं शोधता तो अज्ञानी आसता. पुण जो जें आसा किंवा जें आसचे संभव  आसाता म्हण्णुं प्रकाश आनि काळोखांतलो, जन्म आनि मरणांतलो, आकाश आनि पृथ्वींतलो, पदार्थ आनि परमात्मांतलो फ़रक दिसल्यारियी तो फ़रक गौण म्हण्णुं मान्य करनुं शोधता तो ज्ञानी आसता. दोन्नीं मार्गान गेलिल्यारियी मनुष्य तें एकमात्र लक्ष्य प्राप्त करूं शकता म्हण्णुं जो जाणता तोचि खरो ज्ञानि पुरुष जावनुं आसता, शिवाय तो न्हंय जो एअ मार्ह मात्र ताका लक्ष्य प्राप्त करनु दिता म्हाण्णुण् मार्ग चलता.

सर्व साधरण मनुष्य कर्म करचें त्याग करता किंवा कर्म केलिल्यान प्राप्त जावचें फ़ल त्याग करना. पुण ज्ञानी मनुष्य कर्म करचें त्याग करना पुण कर्म केलिल्यान प्राप्त जावचें फ़लाचि आसक्ति त्याग करता. देकून तागेले कर्म श्रेयस्कर असून तोचि सर्वांतु श्रेष्ठ आसता. हो मार्ग परमात्मालो अनुभव घेवचाक कठीण आसल्यारियी ज्ञानी साधकाक तो योग्य आनि संसारांतु श्रेयस्कर, मंगलदायी म्हण्णुं मान्य करचांतु येता. जो हें जाणता तोचि परमतत्व जाणता.

संसार सोडनुं भायर राना वनांतु धांवनुं परमात्माक शोधचे जन अनेक आसताचि पुण संसारांतु आसून आपण्याले भितर अंतरंगांतु परमात्माक शोधचे जन क्वचित् मेळताचि. कृष्ण सांगता कर्म त्याग करनुं संसार सोडनुं भायर राना वनांतु धांवचें आवश्यक ना, कारण परमात्मा सर्व विश्व व्यापून आशिल्यान जे तरेन तो संसारांतु आसता ते तरेन तो सुद्धा आसता. कर्म संन्यास आनि निष्काम कर्म हे दोन्निंयि मर्ग संसारांतूचि परमात्माक प्राप्त करचे ऊर्जास्थान आसताचि. देकून आप–आपण्याले गुण स्वभावाक अनुसरून खंयचोयि मार्ग स्वीकारल्यारियी तो मार्ग परमात्म प्राप्ती खातिर श्रेयस्कर आसतालो.

प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाक लागून सर्व साधारण मनुष्य कर्म करत आसता आनि कर्म करत नासताना केन्नांयि एक क्षणबी स्वस्थ आसूं शकना. कर्म करताना इंद्रियं, मन, बुद्धी आनि अहंकाराक लागून आकर्षित जावचे भावनेक राग, विकर्षित जावचे भावनेक विराग आनि राग–विरागाचे पेतडेनचे भावनेक वीतराग म्हणताचि. कामना, आसक्ति शिवाय कर्म करचांतु येना. देकून केलिले कर्म आनि कर्मा पासून प्रभावित जावनुं जेन्नां कामना, आसक्ति तीव्र जाता तेन्नां भूत काळांतल्यान वर्तमान काळांतले क्षणा पर्यंत जें जें कर्म करचांतु येता ते सर्व कामनेचे बंधनांतु जीवाक संसारांतु बांधून दवरताचि.

सामान्य मनुष्य इंद्रियासक्तीन कर्म करत भविष्य काळांतु स्वर्गाचें सुख प्राप्त जावचि अपेक्षा करता, पुण अपेक्षा भंग जाल्यार नरक यातना भोगता. असफ़लतेचें दायित्व स्वत: घेत नासताना दुसर्यांक दीता, सफ़लतेचें श्रेय आनि करुत्व दुसरे कोणांकयी, खंयचेयि शक्तीक दीत नासताना स्वत: घेत आसता. ताजे विपरीत ज्ञानी मनुष्य स्वत: कर्म करत आसल्यारियी आपूण तें कर्म करना पुण परमात्मा आपण्याक माध्यम करनुं कर्म करोवनुं घेता म्हण्णुं मान्य करनुं कर्मान प्राप्त जावचे फ़लान आसक्त जाय नासताना सफ़लतेचें श्रेय परमात्माले करुणा

प्रसादाक आनि असफ़लतेचें दायित्व स्वतःचे मन, बुद्धि आनि संचित कर्माक दिता. हीचि आसता कृष्णान केलिलि निष्काम कर्माचि परिभाशा.

कर्म सन्यास म्हळयार कर्म करत नासताना स्वस्थ बसचें किंवा कर्म करनुं मेळिले धन–धान्य, संपत्ती ऐश्वर्य, श्रेय आनि प्रेय त्याग करचें न्हंय. कर्म सन्यास म्हळयार ईश उपनिषांतले – ''तेन त्यक्तेन भुंजीथा मा गृधः कस्य स्विद्धनम् ॥'' वचनाक लागून जें परमात्मान दुसर्यांक दिलिलें आसा ते विषय आसक्त जाय नासताना जें परमात्मान ताका प्रसाद रूपान धन–धान्य, संपत्ती–ऐश्वर्य, घर–दार, आप्त–बांधव दिलिले आसाचि तें अनासक्त, त्याग बुद्धीन स्वीकरनुं जीवन जगचें आसता. कर्म संन्यास म्हळयार कर्म करताना प्राथमिक अवस्थेंतूचि प्राप्त जावचे फ़ला पासून अनासक्त जावनुं कर्म यज्ञकर्म म्हण्णुं करत आसचें. कर्म संन्यास जाणतालो मनुष्य अध्यात्मिक प्रवासांतु आपण्याले कर्माचे लक्ष्य कर्म फ़लावयर न्हंय कर्माचे लक्ष्य आपण्यान करचें कर्मा वयर दवरता. तेन्नांचि जाणवतालो जेन्नां मन इंद्रियांचे प्रभावा पासून मुक्त आसतालें, शरीर स्थित्यंतर केलिल्यान न्हंय. जे तरेन स्वप्नावस्थेंतु केलिले कर्म, मेळिले धन–धान्य, संपत्ती ऐश्वर्य, श्रेय आनि प्रेय जागृतावस्थेंतु असत्य, मायिक, भ्रामिक अशें भास जाता, तेचि तरेन जागृतावस्थेंतु केलिले कर्म, मेळिले धन–धान्य, संपत्ती ऐश्वर्य, श्रेय आनि प्रेय अध्यात्म ज्ञानानंतर असत्य, मायिक, भ्रामिक अशें जाणनुं जें कर्म फ़लाचि अपेक्षा करत नासताना करचांतु येता तें कर्म सन्यास आसता.

जर मनुष्य समजता किं वस्तु, संदर्भ, परिस्थितीचे आकर्षणान मनुष्य बंदनांतु आसता आनि आकर्शण करचे वस्तु, संदर्भ, परिस्थिति पासून दूर गेलिल्यान मनुष्य अनासक्त जावूं शकतालो, तर हो तागेलो भ्रम आसतालो. मनुष्य अनासक्त तेन्नांचि जावूं शकतालो जेन्नां मोह, लोभाचे उगम स्थान भायरचे वस्तु, संदर्भ, परिस्थितींतु न्हंय तर स्वतःचे भितर मनांतु आकर्षण विकर्षणाचें स्रोत पळयतालो. भायरचि वस्तु, संदर्भ, परिस्थिति बदलचें विनायास आसता, भितरलें मन बदलचें  कठीण आसता. देकून भितरले मनाचि स्थिति बदलले शिवाय भायरचि परिस्थिति बदलचे सर्व प्रयत्न असफ़ल जातालें. मनावयरचे प्रभाव म्हळयार संसार. संसार बदलचें म्हळयार मन बदलचें आसून तें बदलचाक मनुष्याक दूर  राना वनांतु किंवा हिमालया वयर वच्चें आवश्यक ना. कारण रान वनांतु किंवा हिमालया वयर गेले तरि ताका स्वतःचे मन घेवनूचि वच्चें पडिल्यान तो गांवांतु आसूं वा रानांतु आसूं, हांतूत तागेले मनावयर फ़रक जावचो ना. कारण इंद्रियां पासून जालिले संस्कार जो पर्यंत मनुष्याले मनावयर आसताचि तो पर्यंत मनुष्याक संसारांतल्यान, संसाराचे प्रभावा पासून दूर वच्चें शक्य जायना. मनावयर प्रभावित जालिले विचार, संस्कार घेवनु मुखार गेलिले शिवाय ताका गत्यंतर ना.  मनाचि स्थिति संसारांतु आसून बदलचें कठीण आसा, पुण अशक्य ना. संसारांतु राबनुं मनाचि स्थिति बदलचि आसता, बदलचाक जाय.

स्रिश्टींतु निर्माण जालिले प्रत्येक आकार प्रकृतीचे नियमाक लागून बदलत, रूपांतरित, परिवर्तन जायत नाश जाताचि, शरीराचो आकार ताका अपवाद ना. शाश्वत सनातन परमात्मालोचि अंश रूपान आशिल्लो आत्मा निर्माण जालिलो ना, देकून आत्माक अंत ना. शरीर नाश जाले तरियी आत्मा नाश जायत नासताना शाश्वत सनातन आसता. पुण मनुष्याक आपण्यालें शरीर बदलचें, परिवर्तन, रूपांतरित जावचें अपेक्षित आसल्यारियी शाश्वत, सनातन आत्माचो संबंध शरीरा बरोबर बांदत आशिल्यान तो शाश्वत, सनातन आत्मा सुद्धां बदलत, परिवर्तन, रूपांतरित जाता म्हण्णुं समजता. ताका  काळ बदललो तशें शरीर बदलता हें जाणवता पुण काळ बदललो तशें आत्मा बदलना हें तो जाणना आनि आत्मा शाश्वत सनातन आसता म्हण्णुं समाधान पावना. देकून जेन्नां मृत्यु मुखार येता तेन्नां तो शरीरा बरोबर आत्मासुद्धां नाश जाता म्हण्णुं दुःख भोगता.

पुण जेन्नां मनुष्य समजतालो किं जो परमात्मा सर्व स्रिश्टींतु अग्निंतु, उदकांतु, वार्यांतु, आकाशांतु, सागरांतु, फ़ुलांतु अंश रूपान आसता तोचि अंश रूपान प्रत्येकांले हृदयांतु वास्तव्य करनुं आसा आनि ते

सर्वांलें आकारांतु बदल, रूपांतर, परिवर्तन जालिल्यान परमात्मांतु बदल जायना तेन्नां तो तो मोहग्रस्त, भ्रमिश्ट जावचो ना.

कृष्ण हेंचि परत परत अर्जुनाक समजायत आसता किं शरीर जे तरेन निश्चितरूपान अनित्य, अशाश्वत आसता ते तरेन शरीरान केलेलिं कर्म सुद्धां अनित्य, अशाश्वत आसता. जर मनुष्य हें समजून आपण्याले कर्म आपण्याले शरीराचे सुखाखातिर न्हंय तर शरीरांतु परमात्माले अंश रूपान आशिल्ले आत्मा खातीर करता तर तें कर्म यज्ञकर्म जावनुं श्रेयस्कर आसतालें. देकून जेन्नां मनुष्य कर्म करता तेन्नां तो खंयचे द्रिश्टीकोणांतल्यान करता हें महत्वाचें आसता. अहंकाराक लागून केलिलें कर्म आनि अहंकाराक लागून केलिलो त्याग हे दोन्निंयी मूळांतूचि कर्मचे दोन पैलु आसताचि, हें ध्यानांतु आसाचाक जाय. गुण स्वभावाक लागून प्राप्त जालिलें कर्म त्याग करनुं संन्यास घेवचो मर्ग पयलें प्रथम सुखद, सुलभ, सरळ सुरळीत अशें दिसल्यारियी अंत समयाक तो कश्टदायक आनि धोकादायक आसता. संन्यास घेवनुं रानांतु निवास करचें म्हण्णुं जो मनुष्य एक जाग्याचो संन्यास घेता तो  मनांतु धृढ वास्तव्य करनुं आशिल्ले आशा, आकांक्षा, कामना, विचारां पासून संन्यास घेतालो म्हण्णुं सांगचाक जायना. पुण मनांतल्यान आशा, आकांक्षा, कामना, विचार विसर्जन केल्यार तो संसारांतु आसून संन्यासी आसतालो.

इंद्रियांचे आसक्तीक लागून मनुष्यालें लक्ष्य भायर स्रिश्टींतले वस्तु–पदार्थांवयर आसून ताका शरीर, मन, बुद्धी आनि इंद्रियांचे मुखांतर सुख समाधान प्राप्त करचें आसता शिवाय भितरले आत्मरूपी स्रोताचे अध्यात्म ज्ञान–विज्ञान प्राप्त करनुं न्हंय. देकून तो समजता किं करचे कर्म सकारात्मक भावनेक लागून संसारांतु सुख, प्रेम, शुभ संकल्प, शुद्ध अवस्था प्राप्त करनुं दिता तर नकारात्माक भाव संसारांतु दुःख, द्वेश, अशुभ संकल्प, अशुद्ध अवस्था निर्माण करता. पुण जो पर्यंत मनुष्याक वस्तु प्राप्त जायत इंद्रियांक सुख दिताचि, तो पर्यंत प्राप्त जालिले सुख नियमित समय, थोडे प्रमाणान अनुभवचांतु येता. पुण जर ते वस्तु इंद्रियांक पूर्ण सुख दीनांचि किंवा इंद्रियांक सुख दिल्यारियी मनाक समाधान दीनांचि तर मनुष्य दुसरे वस्तु, पदार्था कडचान सुख प्राप्त करनुं घेवचाक प्रयत्न करता. देकून इंद्रियान आकर्षित जावनुं फ़ल प्राप्तीचि इच्छा, कामना करनुं कर्म करचें म्हळयार स्वप्न पळयत जीवन जीवचे तरेन आसा. शाश्वत सुख समाधानाचि अपेक्षा मृगजला तरेन अनिश्चित आनि स्वप्नमय जावनुं आशिल्यान विषादाचें कारण जावू शकता. विशाद मनाक ताप दिता आनि वृत्ति क्रोधांतु परिवर्तन करता.

आकर्शण–विकर्षण हे स्वतंत्र भाव नासताना मनुष्याले गुण स्वभावा वयर अवलंबून आसताचि. आपण्याले शरीर आनि आपण्याले आत्मा बरोबर संबंध बांदून दोन्निंयि एकचि आसताचि म्हण्णुं माननुं अहंकारान शरीराचे भायर आशिल्ले वस्तु पदार्थाचे आकर्शण–विकर्षणान प्रभावित जाताचि. जें इंद्रियांक आकर्शक आसता तें प्रिय आनि जें इंद्रियांक आकर्शक आसना तें अप्रिय म्हण्णुं मानता. पुण मनुष्य ध्यानांतु घेना किं संसारांतु जें आयज आकर्शित आसता तें दुसरे दिवस विकर्षित जावूं शकता किंवा जें आयज विकर्शित आसता तें दुसरे दिवस आकर्षित जावूं शकता. मनुश्याक कर्माचो उपभोग घेवचांतु रस आशिल्यान अंतरमुख जावनुं मन शांत दवरचांतु रस ना. भायरचे वस्तु–पदार्थांचे आकर्शणाक जास्त प्रभावी जावनुं आशिल्यान तांगेले मन भिजलेलें लाकडातरेन आसता. भिजलेलें लाकूड केन्नांयि तक्षण प्रज्वलित जायना, धुंवरान वातावरण भरता, गोबर सोडता पुण जळनुं जळना. असले मनुष्यांक अंतर्मुख जावचि संधि मेळना, अंतर्मुख जावचें त्रासदायक आनि कठीण जालिल्यान कर्म संन्यास मानवना.

मनुष्यान आकर्शण विकर्शणाचे पेलतडेन वचून अलिप्त आसचे स्थितीक कृष्ण निष्काम कर्म–योग म्हण्णुं परिभाशा करता. ती स्थिति प्राप्त करनुं घेवचाक भितरलि सकाम कामना भायर निष्काम कर्मांतु रूपांतरित जावचाक जाय. सर्व सामन्यतः वस्तूचो त्याग केलिल्यान मनुष्य त्यागी जायना; वस्तूचि आसक्ति त्याग केलिल्यान त्याग सफ़ल जाता. झाडाक आपण्याले पाना विशय आशिल्लि आसक्ति सोंपलि किं झाड कसलेंयि श्रम, कश्ट

घेत नासताना असावध, अनायास गळनुं पडता, जाका लागून झाडाक दु:ख ना. पान झाडाक चिकटून आशिल्लें पान हुमटून काडल्यार झाडाक दु:ख जाता, जे तरेन फ़लाचि आसक्ति आशिल्ले मनुष्याक फ़लाचो त्याग करचें अस्वस्थ करता, पुण फ़ला पासून अनासक्त आसल्यार कर्म आनि कर्मफ़ल प्राप्त जालें किंवा ना ताज्जे पासून तो अस्वस्थ जावचो ना आनि संसारांताले सर्व द्वंद्वाचे बंधनांतल्यान मुक्त जाता. कृष्ण म्हणता अनासक्त कर्म आनि कर्म संन्यास हे दोन मार्ग आसून तांतूत कर्म सन्यास प्रत्यक्षांतु हाडचें कठीण आसता, पुण कर्मयोगान कर्म सन्यास करचो मुनि शीघ्र ब्रह्मप्राप्ति करता – ''संन्यासस्तु महाबाहोदु:खमाप्तुमयोगत: । योगयुक्तो मुनिर्ब्रह्म नचिरेणाधिगच्छति ॥''.

जे मनुष्यालें जीवन अध्यात्म ज्ञान–विज्ञानाक लागून पवित्र, शुद्ध, श्रद्धावान् जालिलें आसा ताका माध्यम रूपान वापरचांतु येवचें शरीर, वस्तु–पदार्थ, किंवा परिस्थितीक लागून कसलेयी आपत्ति आसचि ना. अनासक्त जावनुं भौतिक पातळीवयर मनांतल्यान कामना, आकांक्षा विसर्जन करनुं अध्यात्मिक पातळीवयर योगयुक्त जावनुं कर्म करचें म्हळयार कर्म योग आसता. अध्यात्मिक पातळीवयर योगयुक्त जावनुं अस्तित्व पळयताना, आयकताना, आफ़ुडताना, हुंगताना, खाताना, चलताना, निदताना जो साधक आपून कर्म करना पुण जें कर्म करचांतु येता तें परमात्मा आपण्याक माध्यम करन्नुं आपण्याले हातांतल्यान करोवनुं घेता. देकून जर मनुष्य योगयुक्त जावनुं आपण्याले प्रकृतुजन्य गुण स्वभावाक लागून निरपेक्ष, निश्पक्ष आनि तटस्थ मनोवृत्तीन कर्म करता तर तें कर्म परमात्मान स्रिश्ति निर्माण करताना घालनुं दिलिले यम–नियमांक अनुरूप आसतालें. देकून योगि जन सर्व विषयांचि आसक्ति, वासना त्याग करनुं केवल शरीर, मन, बुद्धि आनि इंद्रियांन निरपेक्ष, निश्पक्ष कर्म करत आसताचि – ''योगयुक्तो विशुद्धात्मा विजितात्मा जितेंद्रिय: । सर्वभूतात्मभूतात्मा कुर्वन्नप्पि न लिप्यते ॥''.

जो मनुष्य कृष्णान ''सर्व धर्मान्परित्यज्य मामेकं शरणं व्रज ।'' म्हण्णुं सांगिल्ले तरेन मन शुद्ध आनि अंत:करण श्रद्धावान जालिल्यान ताणें शरीर, मन, बुद्धी, इंद्रियांन केलिलें किंवा करचें सर्व कर्म बंधन जावचें ना आनि परमात्माक समर्पित जालिल्यान ताका जे तरेन कमला पानाक उदकाचो स्पर्श जायना ते तरेन ताका पापाचो स्पर्श जावचो ना – ''ब्रह्मण्याधाय कर्माणि संगं त्यक्त्वा करोति य: । लिप्यते न स पापेन पद्मपत्रमिवांभसा ॥''. ''जो बुद्धीकी भाषा नही जानता । मनमें अंकुर नहीं फ़ुटता । ऐसा व्यापार जो तनसे होता । वह शरीर कर्म ॥ इसीको स्पश्ट रूपासे कहता । जैसा बालकका कर्म है होता । योगीका कर्म वैसे ही रहता । केवल तनसे ॥ ... बुद्धीसे तन तक नहीं । अहंकारका चिन्ह भी नहीं । वे कर्म करके ही अवहीं । शुद्ध रहते ॥ कर्तुत्वभाव बिन कर्म । होता वही सही निष्कर्म । जानते ये उसका वर्म । गुरु–गम्य जो ॥'' (ज्ञानेश्वर).

फ़लाचें ममत्व त्याग करचें पयलें साधनाचें ममत्व त्याग करचें आवश्यक आसता. कारण फ़लाचो त्याग करचाक गेलिलो मनुष्य साधनेचें प्रक्रियेंतु अडखळून आसाता. जो हे तरेन फ़लाचे आनि साधनेचे प्रक्रियेन अडखळत नासताना जगांतले सर्व यम–नियम, धर्म–नीतींचे पेलतडेन वचून फ़लाचे आनि साधनेचे विशय आसचे आसक्तीन प्रभावित जाय नासताना ते दोन्निंयी त्याग करनुं शरीर, मन, बुद्धी आनि इंद्रियांचे मुखांतर कर्म निष्काम भावनेन यज्ञकर्म म्हण्णुं करता तो योगी आसता – ''कायेन वाचा बुद्ध्या केवलैरिंद्रियैरपि । योगिन: कर्म कुर्वंति संगं त्यक्त्वात्मशुद्धये ॥''.

कृष्ण सांगता किं मनुष्यान केलिले विचार, उलयिलि वाणि किंवा केलिलें कर्म ताणें स्वत: केलिले नासताना ते सर्व तागेले कडचान परमात्मान तागेले गुण स्वभावाक लागून करचांतु येवचे कर्म आसताचि. जर हें मान्य करनुं ताणे कर्म केल्यार तें ताका बंधनकारक जावचें ना. परमात्मा जर लक्ष्य आसा तर द्वार खंयचोंयी आसूं, मार्ग खंयचेंयी आसूं, माध्यम खंयचेंयी आसूं, साधन खंयचेंयी आसूं, तो निश्चयन तें लक्ष्य प्राप्त करतालो. देकून ज्ञानि मनुष्य सकाम कर्म, निष्काम कर्म आनि तांका लागून प्राप्त जावचे फ़ला विशय भेद करत नासताना, खंयचोयी एक मार्ग कसलेंयि ममत्व दवर नासताना स्वीकारता.

ध्यानांतु दवरचाक जाय जिं काम, कामना एक व्यापक, विराट, विशाल शक्ति, उर्जा आसता जी इंद्रियांचे मुखांतर सुख मात्र न्हंय तर संसारांतु सकारात्मक किंवा नकारात्मक भावनेन कर्म परिवर्तन करनुं ऊर्ध्वगतीचे दिशेन किंवा अधोगतीचे दिशेन प्रभावित करू शकता. पुण सकाम कर्म आनि ताजें फ़ल आनि निष्काम कर्म आनि ताका लागून प्राप्त जावचें फ़ल वेगळें म्हण्णुं भौतिअक पातळीवयर समजचांतु येत आसल्यारियी जेन्नां मन, वाणि आनि कर्म शुद्ध, पवित्र आनि अंत:करण श्रद्धावान जावनुं अध्यात्मिक पातळीवयर कर्म करचांतु येता तेन्नां सकाम आनि निष्कम केलिलें कर्म आनि मेळिलें सकाम आनि निष्काम कर्मफ़ल परमात्माक समर्पण केलिल्यान प्राप्त जावचि असामान्य शक्ति आनि मेळचो अलौकिक समाधान मनुष्याले सीमित अहंकारचे पेलतडेन आसता.

कृष्णान हे तरेन समजावचें अर्जुन अज्ञानि आसा म्हण्णुं न्हंय तर जेन्नां मूर्तिमंत ज्ञानैश्वर्यान प्रकाशस्वरूप आशिल्लो कृष्ण मुखार उभो आसता तेन्नां अर्जुनान आप्त–बांधव, सगे–सोयर्यांले मोहान अज्ञानाचे अंध:कारांतु वावुरचें योग्य न्हंय म्हण्णुं दाखोवचे खातिर आसता. सरपळी भांगराचि आनि भिंत माणिक–मोतींनि सजयल्यारियी, सरपळी सरपळीचि आसता, भींत भींत आसून बंधनकारक जावनुं आसता. देकून संसार सागरांतल्यान मुक्त जावचाक धर्मशास्त्राचे नीति–नियमांचि आवश्यकता आनि सुरुवात तेन्नांचि जाता जेन्नां अज्ञानाचे अंध:कारांतु वावुरचे मनुष्याक ज्ञानप्रकाशाचि किरणांचो स्पर्श जाता. ज्ञानी मनुष्य तो आसता जो धर्मशास्त्राचे नीति–नियमांचे किरणांचे अस्पश्ट प्रकाशांतु भूत काळांतले पूर्वगृहित विचार, आचार, संस्कारान किंवा भविष्य काळांतु मेळचे कर्मफ़लाचे आशा, कामना, इच्छेन प्रभावित जायत नासताना वर्तमानकाळांतु मना वयर आशिल्लें अज्ञान आनि मोहाचे कल्मश पोळोवनुं प्रज्ञावंत जाता. प्रज्ञावंत जालिले ज्ञानी मनुष्याक कर्म करचाक कारण अवश्यक ना, कर्म केलिल्यान ताका कर्मफ़लाचि अपेक्षा ना. विचारांतु आनि आचारांतु समन्वय आशिल्यान तागेले कर्म आनि कर्मफ़ल परमात्माले चरणांतु झाडावयल्यान पिकिलें पान स्वाभाविक गळनुं पडिल्ले तरेन असावध, अनायास समर्पित जाता. तो देवाक पूजता, कीर्तन करता, भजता पुण परमात्माले गुणगान करनुं संसारांतु भौतिक सुख किंवा इहलोकांतु समाधान न्हंय तर परलोकांतु तागेले सान्निध्यांतु परमानंद अनुभवचाक मनुष जन्म दीवनुं संधि अनुग्रह केलिल्यान कृतज्ञता, आभार, धन्यवाद व्यक्त करचाक वता. तागेलि प्रार्थना याचना न्हंय तर समर्पण जावनुं आसता. प्रज्ञावंत जालिलो ज्ञानी मनुष्यालें जीवन सुखिलें लाकडा तरेन आसून परमात्माले उर्जाशक्तीक तक्षण प्रज्वलित जाता,आशा–आकांक्षा, कामनेचो कांयी लवलेश, गंध नासताना पूर्ण जळनुं सर्व दिशेन प्रकाश पसरायता, आशा–आकांक्षा, कामनेन वल्लें जालिले लाकडा तरेन जळताना वातावरणांतु धुवर पसरायत, गोबर सोडना. असलो मनुष्य तन–मनावयर संयम, बुद्धी अविचल शांत आनि एकाग्र दवरनुं आपण्याले मनांतल्यान विचार समूळ नश्ट आनि मनन, निदिध्यासन करनुं भितर अंत:करणांतु परामात्माक पळयता.

सामान्यत: मोह, ममत्व शरीराचे अहंकाराक लागून निर्माण जाता शिवाय भितरले आत्माक लागून न्हंय. जर मनुष्याक आपण्यालें कर्म यज्ञकर्म म्हण्णुं लोक कल्याणा खातिर करचें आसल्यार ताणें करचें कर्म आपूण करतां, आपूण पूजा करता, आपूण तप करता, प्रार्थना करता, दान धर्म करतां म्हण्णुं केलिले कर्माचे सर्व कर्तुत्व स्वत: कडेन दवरनुं घेत नासताना केलिले कर्माचो मोह, ममत्व सोडचें आवश्यक आसता. धार्मिक भावनेन कसलेयि इच्छा, आसक्ति, आकांक्षा किंवा कामना नासताना अनासक्त, निर्विशय जालिलो तत्ववित्, तत्वज्ञानि संसारांतु भायरचें शरीराचे ममत्व सोडनुं भितरले अंतरंगांतु आशिल्ले आत्म शक्तिचो अनुभव आनि साक्षात्कार जालिल्यान जो पर्यंत शरीर भितरल्यान सजीव आसता तो पर्यंत भायल्यान शरीरांतु अभिव्यक्त जावचे सुख–दु:ख, प्रेम–द्वेशान प्रभावित जाय नासताना आपूण कांयि करना, जें करचांतु येता तें सर्व ताका माध्यम, निमित्त करनुं परमात्माचि कर्म करोवनुं घेता म्हण्णुं मान्य करनुं अनंत काळापासून संचित जालिले कर्मफ़ल भोगत वर्तमान काळांतु निष्काम कर्म करचें दायित्व स्वीकारता.

देकून धर्माचो हो प्रवास शरीर, मन, बुद्धी, इंद्रियं शुद्ध पवित्र करनुं सुरवात जायत आसल्यारियी परमात्मालो शोध शरीर, मन, बुद्धी, इंद्रियांक माध्यम करनुं पूर्ण जायना. जो अनंत काळापासून परमात्मालें निजधामाचो शोध घेत सुरु केलिलो प्रवास एक जन्मांतु अनुभव घेतिल्यान पूर्ण जायना. जें शरीर एक साधन रूपान एक जन्मांतु प्राप्त जालिलें आसता तें शरीरांतु लक्ष्य प्राप्त जालें ना तर तें शरीर सोडनुं नवे जन्मांतु प्राप्त जालिले नवे शरीरांतु नवे जन्माचि सुरवात लक्ष्य प्राप्त जावचें पर्यंत धर्माचो प्रवास आसता. जे तरेन दिवलेंतलि ज्योत प्रकाश पसरचाक तेलावयर अवलंबून आसता, ते तरेन परमात्मलो षोध घेवचाक मनुष्य आपण्याले शरीर, मन, बुद्धी आनि इंद्रियं, वस्तु–पदार्थांचो आधार घेवनुं पूजा–पाठ, अर्चना–याचना, जप–तप, नाम स्मरण–कीर्तन करता. जे तरेन फ़लाचे आसक्तीन बांधलेलो एक पशु वाहन ओढत आसता पुण फ़ल प्राप्त करना ते तरेन मनुष्य फ़लाचे आसक्तीन पूजा–पाठ, अर्चना–याचना, जप–तप, नाम स्मरण–कीर्तन करता पुण फ़ल प्राप्त करना. मनुष्याक मनुष्या तरेन जीवन जगचें आसल्यार ताका भायरचे स्रिश्टींतले वस्तु–पदार्थ आनि शरीर, मन, बुद्धी आनि इंद्रियांचे सुख समाधानान प्राप्त जावचे फ़लाचें आकर्षण आनि आसक्ती पासून अलिप्त आसून भितरले आत्मरूपी स्रोताचे अध्यात्म ज्ञान–विज्ञान प्राप्त जावचे खातिर प्रजापतीन घालनुं दिलिले यम–नियम पालन करत आपण्याले दायित्व पूर्ण करचे आवश्यक जातालें. कृष्ण सांगता – ''युक्तः कर्मफ़लं त्यक्त्वा शांतिमाप्नोति नैष्ठिकम् । अयुक्तः कामकारेण फ़लै सक्तो निबध्यते ॥''.

ज्ञानीक आपण्यालें दायित्व पूर्ण करचाक खंयचोयी प्रदेश वास्तूंतु प्रवेश करचें आवश्यक ना, कारण संकल्प, लक्ष्य एक, अद्वैत आसता, अंतर्मुख किंवा बहिर्मुख, दोन विकल्प, मार्ग दुय्यम आसताचि. देकून ताणें प्रवेश केलिलो प्रत्येक प्रदेश, वास्तु एक पुण्य क्षेत्र, मंदिरांतु परिवर्तन जाताचि. परिणामतः शरीराचे नवद्वार सतेज आनि संवेदशील करनुं भौतिक पातळीवयर बहिर्मुख जावनुं पूजा, अर्चना, प्रार्थना किंवा शरीराचे नवद्वार बंद करनुं अध्यात्मिक पातळीवयर अंतर्मुख जावनुं श्रवण, मनन, ध्यान, धारणा शक्ति सृजन करनु ते प्रदेश, ते वास्तूंतु प्रवेश प्राप्त करनुं घेवचें साध्य आसता. ते प्रदेश, वास्तूंतु प्रवेश प्राप्त जालिल्यान केलिलें किंवा कराअंतु येवचे सर्व कर्मांचे फ़ल त्याग बुद्धीन परमात्माक समर्पित जावनुं निश्चित परमात्मालें अद्वैत, अद्वितीय परम अनुभव, परम पद प्राप्त जातालें. कारण जेन्नां कर्मफ़ल परमेश्वराक समर्पित करचांतु येता तेन्नां संसारांतु बांदून दवरचे सर्व शृंखला तुटून पडनुं मुक्तीचि दिशा स्वच्छ दिसून मोक्षाचे द्वार पूर्ण उघडिलें दिसतालें – ''सर्वकर्माणि मनसा संन्यस्यास्ते सुखं वशी । नवद्वारे पुरे देही नैव कुर्वन्न कारयान् ॥''. आनि मनान कर्माचे कर्तुत्व स्वीकारिले नाशिल्यान तो निःसंदेह आपण्यालिं कर्म करत आसल्यारियी अंतःकरणांतु आनंदस्वरूप, नित्य तृप्त, संतुश्ट आसतालो. ''जिस ओर उसकी द्रिश्टि । होति वहां सुखकी सृश्टि । जहां वह अकहता दृश्टि । होति महा–बोधकी ॥ नवद्वारके देहमें जैसे । राहकर न रहता वैसे । रहे फ़लत्यागी ॥'' (ज्ञानेश्वर).

ऋग्वेदांतु कर्म करनुं कर्मफ़लाचे आसक्तीन भोग भोगचे जीव आनि कर्म करनुं कर्मफ़लाचे अनासक्तीन निस्पृह आसचे जीवांतलो संबंध एकचि झाडावयर बशिले दोन पक्षींले उदाहरण दीवनुं स्पश्ट केलिलो आसा. जी पक्षि आसक्त जावनुं झाडावयले फ़ल खात आसता ती इंद्रियान प्रभावित जावचे मनुष्याले तरेन आसक्त जावनुं संसारांतु केलिले कर्मांचे फ़लाचो उपभोग घेत आसता तर जी पक्षि अनासक्त आसून झाडावयले फ़ल खावचे पक्षीक पळयत बसता ति आत्माले तरेन अनासक्त आसून जें घडता तें पळयत आसता – ''द्वा सुपर्णाः सयुजा सखया समानाः वृक्षं परि पस्वजाते । तयोरन्यः पिप्पलं स्वदत्यनश्नुन्नन्यो अभि चाकशीति ॥''.

स्रिश्टींतले घटकांक परमात्मान धर्माचे यम–नियम घालनुं जीवन जगचें स्वातंत्य दिलिलें आसा देकून ताका लागून स्रिश्टींतु सकारात्मक किंवा नकारात्मक बदल, परिवर्तन, रूपांतर जावचे अपेक्षित आसता. मनुष्यालो जीव शरीरांतु आसताना जें कर्म अज्ञानाचे आवरणान लागून करचांतु आयिलें आसता ते कर्मांचे फ़ल परमात्माले न्यायाक लागून जीवात्मा परमात्मालोचि अंश आसाल्यरियी नवे शरीरांतु जन्म घेवनुं कर्मफ़ल भोगचांतु येता.

परमात्मा तांतूत हस्तक्षेप करना, घटनेंक जवाबदार आसन, कर्मांचे किंवा कर्म–फ़लाचे कर्तुत्व किंवा दायित्व घेना – ''न कर्तुर्वं न कर्माणि लोकस्य सृजति प्रभुः । न कर्मफ़लसंयोगं स्वभावस्तु प्रवर्तते ॥''. मनुष्यान केलिले कर्माचे उत्तरदायित्व मनुष्यालेंचि आसता, परामात्मालें न्हंय – ''नादत्ते कस्यचित्पापं न चैव सुकृतम् । अज्ञानेनावृतं ज्ञानं तेन मुह्यंति जंतवः ॥ ज्ञानेन तु तदज्ञानं येषां नाशितमात्मनः । तेषामादित्यवज्ज्ञानं प्रकाशयति तत्परम् ॥''. एक न्यायाधीशालि भूमिका स्वीकारनुं केलिले कर्माचें फ़ल प्राप्त करनुं दिता.

परमात्मा खंयचेयि घटकांचे पाप वा पुण्य घेत नासल्यारियी जे मनुष्याले अज्ञान अध्यात्म ज्ञान–विज्ञानानाक लागून विसर्जन जालिलें आसता तांगेलें जीवन जे तरेन सूर्याले प्रकाशांतु सर्व कांय प्रकाशित जाता ते तरेन सृजन जाता – ''ज्ञानेन तु तदज्ञानं येषां नाशितमात्मनः । तेषामादित्यावज्ज्ञानं प्रकाशयति तत्परम् ॥''. जे जनांले अज्ञान दूर जाता, ते ज्ञानाचे प्रकाशांतु परमात्माले दर्शनाक अधिकारी जावनुं स्रिश्टींतलिं घटकं जे स्रोता पासून विस्तारित जालिले आसताचि तेचि रूप–आकारांतु परत एकरूप जाताचि.

जो साधक हे तरेन आपण्याले दोश, व्यंग, पापा पासून विसर्जन करनुं आपण्याले अंतःकरणांतु अंशरूपान आशिल्लो परमात्माले वयर द्रिश्टी केंद्रित आनि प्रज्ञा स्थिर करनुं, परमात्माक अव्यय आश्रय आनि लक्ष्य करनुं विवेक बुद्धीन पूजता तो तें अक्षय परम पद प्राप्त करता, खंयचान परत हे संसारांतु प्रवेश आसचो ना – ''तद्बुद्धयस्तदात्मानस्तन्निष्ठास्तत्परायणः । गच्छंत्यपुनरावृतिं ज्ञाननिर्धूतकल्मषाः ॥''. जो हे तरेन विद्या आनि विनयान परिपूर्ण जालिलो मनुष्य ब्रह्मज्ञानि, गाय, हस्ति, सुणें, सूण्यालें मांस खावचो मनुष्य किंवा पंडितांतु कसलोयी भेद करत नासताना सर्वांक सम द्रीश्टीन पळयता – ''विद्याविनयसंपन्ने ब्राह्मणे गवि हस्तिनी । शुनि चैव श्वापके च पंडिताः समदर्शिनः ॥''. आनि इंद्रिय स्पर्शान किंवा भायरचे वस्तून प्रभावित जायत नासताना भितर आशिल्लो परमात्मालो आश्रयांतु आसून हे जन्मांतूचि समत्व भावनेन परमात्माले निर्दोष अस्तित्वांतु परमानंद अनुभवता – ''इहैव तैर्जितः सर्गो येषां साम्ये स्थितं मनः । निर्दोषं हि समं ब्रह्म तस्माद् ब्रह्मणि ते स्थिताः ॥''. हे तरेन परमात्माले सान्निध्य प्राप्त जालिल्यान तो अति हर्ष किंवा अप्रिय मेळिल्यान अति दुःख अनुभव ना – ''न प्रहृष्येत्प्रियं प्राप्य नोद्विजेत्प्राप्य चाप्रियम् । स्थिरबुद्धिरसंमूढो ब्रह्मविद्ब्रह्मणि स्थितः ॥''. ''जहां है अहंकारका भाव । वही है द्वैतका संभव । जहां अहंकार अभाव । वहां विषमता कैसी ॥ इसीलिये सर्वत्र सदा सम । आप हि है जो आद्य ब्रह्म । जानकर यह संपूर्ण वर्म । समदृश्टीका ॥ विषयसंग न छोडते । इंद्रिय दंडन न करते । असंगता है ये भोगते । निरिच्छासे ॥'' (ज्ञानेश्वर).

किंबहुना ज्ञान–विज्ञानाक लागून जे मनुष्याले जीवन बाह्य स्पर्शान, गुण स्वभावा पासून निर्विशय, अनासक्त आसता तो संसारांताले द्वंद्वापासून मुक्त जावनुं स्वतःचे आत्मांतु स्थिर जावनुं आदि आनि अंत नाशिल्लें सुख समाधान अनुभवता – ''बाह्यस्पर्शेष्वसक्तात्मा विंदत्यात्मनि यत्सुखम् । स ब्रह्मयोगयुक्तात्मा सुखमक्षयमश्नुते ॥ ये हि संस्पर्शजा भोगा दुःखयोनय एव ते । आद्यंतवंतः कौंतेय न तेषु रमते बुधः ॥''. संसारांतु तटस्थ भावनेन दुसर्यांले कठीण क्षणांतु तांगेले दुःखाचे अश्रु पुसून सांत्वन करचें सुलभ आसता. पुण दुसरे जनांले दुःखांतु पूर्ण सहभाग जावचें कठीण आसता. दुसरे जनांले दुःखांतु जो दया दाखयता ते मनुषाले मनांतु कळत नकळत, प्रत्यक्ष अप्रत्यक्श, दुसरो दुःखी आसा आपूण ना म्हण्णुं असावध समाधान आसता. सांत्वन करचो हांवु सांत्वन करनुं घेवचे वेगळे हो समाधान, ही भावना मनांतु आसता. पुण उपनिशद सांगता किं जें कांय स्रिश्टींतु आसा तें सर्व, स्थूल आनि सुक्ष्म, चेतन आनि अचेतन, परमात्मान व्यापून काडिलें आसा – ''ईशावास्यमिदं सर्वं यत् किंच जगत्यां जगत् ।''. देकून ज्ञानी मनुष्य सर्व विश्वांतु आसचो आत्मा आनि अपण्याले अंतःकरणांतु आसचो आत्मा एकचि स्रोतांतल्यान आयिल्यान अन्य जनां पासून व्यथित जायना – ''यस्तु सर्वाणि भूतानि आत्मन्येवानुपश्यतो । सर्वभूतेषु चात्मानं ततो न विजुगुप्सते ॥''. इंद्रियान मेळचे सुख क्षणिक आशिल्यान ताका आदि आनि अंत आसता. पुण भितरले आत्मान मेळचे सुख समाधानाक आदि आनि अंत ना. देकून समत्व स्वाभाविक भाव आनि लक्षण जावनुं आशिल्लो ज्ञानी मनुष्य परमानंद अनुभवत

आसताचि. देकून कृष्ण सांगता किं जो मनुष्य मृत्यु येवचे पयलें हे संसारांतले आकर्शण, कामना आनि क्रोधाचे प्रभावान पासून अलिप्त आसू शकता तो निश्चितरूपान सुखी योगि आसता – ''शक्नोतीहैव य: सोढुं प्राक् शरीरविमोक्षणात् । कामक्रोधोद्भवं वेग स युक्त: स सुखी नर: ॥''.

शरीर स्पर्शान मेळचे अनुभवाक सुरवात आनि अंत आशिल्यान ज्ञानी जन ते अनुभवाचि प्रतीक्षा करनांचि. तोचि मनुष्य कृपावंत आसून सांत्वन करू शकता जो आपून आन्य जनां पासून वेगळो म्हण्णुं संसारांतले द्वंद्वा पेलतडेन आस्सिल्लो ज्ञानि आसता. तोचि मनुष्य जो काम–क्रोध, मोह–लोभा पासून दूर आसून तागेलें चित्त शांत, समत्व, समभाव आसता तोचि कृपावंत आसू शकता. जो मनुष्य शरीर त्याग करचें पयलें भितर अंत:करणांतु परामात्माले अव्यय, अविनाशी अस्तित्व अनुभवता तो ब्रह्म साक्षात्कारान ब्रह्मपद प्राप्त करता – ''योंऽत:सुखोऽंतरारास्तथाऽंतर्ज्योतिरेव य: । स योगी ब्रह्मनिर्वाणं ब्रह्मभूतोऽधिगच्छति ॥''. सर्व पाप वासना क्षीण जावनुं शुद्ध, शांत, पवित्र आनि श्रद्धावान् जालिले अंत:करणांतु भूतदया उदयाक आयिल्यान सर्व पाप वासना क्षीण जावनुं तो परमात्मालें परात्पर ब्रह्मपद प्राप्त करता – ''लभंते ब्रह्मनिर्वाणमृषय: क्षीणकल्मषा: । छिन्नद्वैधा यतात्मन: सर्वभूथहिते रता: ॥ कामक्रोधविमुक्तानां यतीनां यतचेतसाम् । अमितो ब्रह्मनिर्वाणं वर्तते विदितात्मनाम् ॥''. ''जैसे पवन–गतीके साथ । जलपे खेले जल सतत । जानते जन उसमें द्वैत । तरंग रूप ॥ वैसे नाम–रूप भिन्नतका । वैसे ब्रह्म ही सच है एक । मन साम्य हुआ है जिसका । सदा सर्वत्र ॥ .. जैसे मृगजलका महापूर । हिला नहीं सकता गिरिवर । वैसे शुभ–अशुभमें विकार । उठते नहीं ॥ वही है निश्चित । समदृश्टि प्राप्त । हरि कहे पार्थ । वही ब्रह्म ॥'' (ज्ञानेश्वर).

संसारांतु मनुष्य विचित्र अवस्थेंतल्यान वचत आसता. संसारांतले संघर्षान त्रस्त जालिल्यान मुक्त जावचि कामना करता, पुण गुण स्वभावाक लागून करचांतु येवचे प्रयत्न यश प्राप्त करनुं दीनांचि. कृष्ण साक्षात् परमात्मा आशिल्यान भक्तांनि फ़ातर मागल्यार तो तांका वज्र–वैढूर्य दिवचाक उत्सुक आसता. पुण भक्तान जें मन आनि अंत:करण उघड दवरनुं आयकुवचें आशिल्लें तें संसारांतले मोहाक लगून तें  आयकल्लें ना. जें मागचें आशिल्लें तें मागचांतु आयलें ना. जें कृष्णान समजावचें आशिल्लें, तें अर्जुन समजलो ना, कारण तो अजून मोहांतु आशिल्लो. ताका जें समजावचें आसा, तें समजुवनुं घेवचि क्षमता आसल्यारियी ते क्षमते वयर मोहाचो पांघरूण आसा. अर्जुन मोहांतु आशिल्यान ताका संसार सोडचें आसता, कृष्ण प्रज्ञावंत आशिल्यान तागेलो मोह नाश करनुं थंय अध्यात्माचो आनंद प्रस्थापित करचो आसता. आयज पर्यंत जें मनुष्य ज्ञान म्हण्णुं समजत आयला तें सर्व भायरचान दुसर्यां कडचान भौतिक पातळीवयर प्राप्त केलिलि केवल माहिति, संकेत, सूचना, समाचार जावनुं असा. जें दुसर्यां कडचान मेळता तें सर्व भायरचान मेळयिलें ज्ञान आसता भितरल्यान साक्षात्कारन अनुभविले विज्ञान न्हंय. ब्रह्मज्ञान भायरचान मेळना, तें भितरल्यान अनुभवचें आसता. जो मनुष्य भायरचान स्पर्श जावचे सर्व संबंधा पासून अलिप्त आसून आपण्यालि दृश्टी प्राणायम करत भोंबया मदें स्थिर आनि इंद्रियां वयर नियंत्रण दवरनुं मन आनि बुद्धि अस्थिर जावचाक दीतनासताना संसारांताल्यान मुक्त जावचाक सिद्ध जालिलो आसता तो आसक्ति, क्रोध आनि भय पासून मुक्त जावनुं स्वत:चे आत्मांतु सुख–समाधान शोधता ताका आत्मज्ञानाचें परमसुख–परम समाधान, परमानंद प्राप्त जाता. असलो योगी स्वत:चे भायरचे शरीर आनि वातावरणांचे बंधनांत्यान मुक्त जावनुं भितरल्यान अंकुर पावचे ब्रह्मभावनेंतु आपण्यालें विभक्त जालिलें अस्तित्व परमात्माले अविभक्त अस्तित्वांतु मेळिल्यान तादात्म्य प्राप्त करनुं सर्व भूतजातींचो आनि परमेश्वरालो सुहृद जावनुं शांति प्राप्त करता – ''भोक्तारं यज्ञतपसां सर्वलोकमहेश्वरम् । सहृदम् सत्वभूतानां ज्ञात्वा मां शांतिमृच्छति ॥''.

००००० 



# *अध्याय सव्वो*
# *ध्यान योग*

पूर्व काळापासून भारतांतु दोन वेग–वेगळे सामाजिक, सांस्कृतिक, धार्मिक आनि अध्यात्मिक संप्रदाय प्रामुख्यान प्रचलित आशिल्ले – आर्यांलो यज्ञ संप्रदाय आनि आर्येतरांलो मुनि संप्रदाय. आर्यांले संप्रदायेचे निदर्शन वेद, उपनिषद, महाभारत, रामायण तसले इतिहास, पुराणांतल्यान जायत आसल्यार आर्येतरांले संप्रदायेचे निदर्शन हरप्पा आनि मोहेंजोदारो हे प्रदेशांतले उत्खनांतले अवशेषांतल्यान प्राप्त जालिले आसाचि. सुरवातीक आर्यांलो आनि आर्येतरांलो एकमेकांले सामाजिक, सांस्कृतिक, धार्मिक आनि अध्यात्मिक विचार आचारांतु वैमनस्क आशल्यारियी जशें जशें आर्यांलो आनि आर्येतरांलो परस्पर वांशिक, सामाजिक संबंध मिसळले तशें तशें एकमेकांलो सामाजिक, सांस्कृतिक, धार्मिक आनि अध्यात्मिक संबंद एकमेकांक प्रभावित जायत एक विशिश्ट, विशाल, विराट आनि व्यापक सनातन धर्म भारतांतु अवतरलो.

हे विशिश्ट, विशाल, विराट आनि व्यापक सनातन धर्माचें रूप वेग–वेगळे संवेदनशील ऋशींनीं वेग–वेगळे तरेन आप–आपण्याले गुण स्वभावाक लागून अनेक धर्म ग्रंथांतल्यान वैदिक आनि अवैदिक संप्रदायेचे रूपान अभिव्यक्त केले. तेचि अनेक दर्शनकारांनि, भाष्यकारांनि श्रवण, चिंतन, मनन, ध्यान धारणा करनुं आप–आपण्याले गुण स्वभावाक लागून विवेचन विश्लेषण केलें. हे तरेन पूर्वकळांतु परमात्मान सूर्याक दिलिलो शुद्ध, पवित्र 'अव्यय योग' साक्षात्कारी ऋशींले, दर्शनकारांले आनि भाष्यकारांले निवेदन, विवेचन, विश्लेषणाक लागून हस्तांतर जायत काळांतरान विकृत, कलुशित, भ्रश्ट आनि दुर्मेध जालो.

संसाराचि रीत विचित्र दिसता. जें आकर्शक आनि प्रिय आसता तें श्रेय आसना; जें श्रेय आसता तें आकर्शक किंवा प्रिय आसना. जें श्रेय असाता तें मनुष्या कडचान मागचांतु येना, जें आकर्शक आनि प्रेय आसता तें मागचांतु येता. जें मेळना, जें मेळचें अपेक्षित ना, तें मेळोवचे खातीर मनुष्य धडपडत आसता. जें सोडचें आसता, जें सोडचें अपेक्षित आसता, तें सोडचे खातिर मनुष्य प्रयत्न करना, आनि तें ताका चिकटून आसता. जितलें वासने पासून दूर आसचाक मनुष्य प्रयत्न करता तितलेंचि तो वासनेचे लागीं आकर्शित जावनुं बंधनांतु अडखळता. ही आसता जीवनाचि शोकांतिका.

समाजांतले सर्व प्रचलित धर्म संप्रदायेचो, रीत–रिवाजांचो, पूजा–पाठांचो, यम–नियमांचो कृष्ण निष्णात अभ्यासक आनि ज्ञान–विज्ञानाचो मूर्तिमंत प्रतीक म्हण्णुं मानचांतु येता. देकून इंद्रियान प्राप्त जावचे सुख समाधाना खातिर करचे कर्मा पेक्षा लोक कल्याणा खातीर करचें कर्म यज्ञ कर्म जालिल्यान तें जास्त श्रेयस्कत आसता म्हण्णुं कृष्ण परंपरेक लागून मान्य जालिले संप्रदायेक एक नवीन वळण, नवीन द्रिश्टीकोण दीवनुं सनातन अव्यय योग विस्तारान सांगता. जो मनुष्य हें जाणनुं संन्यास धर्माचि समन्वय करता तोचि खरो योगी आसता शिवाय तो न्हंय जो स्थूल अग्नींतु आहुति अर्पण करनुं यज्ञ कर्माचे आडंबर करता, म्हण्णुं समजायता – "अनाश्रितः कर्मफ़लं कार्यं कर्म करोति यः । स संन्यासी च योगी च न निरग्निर्न चाक्रियः ॥". जें संन्यास म्हणचांतु येता तें वेगळें कांयी नासताना संकल्प सोडनुं करचो कर्मयोग जावनुं आसा – "यं संन्यासमिति

प्राहुर्योगं तं विद्धी पांडव । न ह्यसंन्यस्यस्त्सं्कल्पो योगी भवति कश्चन ॥''. जो हे तरेन कर्म करता तोचि खरो योगी आनि त्यागी जावनुं आसता. कारण कर्म भायरचे शरीरान त्याग करचें सुलभ आसता; भितरले अंत:करणान फ़लाचि आशा सोडनुं कर्म करचें कठीण जावनुं आसता. तो संन्यासी न्हंय जो भायरचान कर्म त्याग करता पुण भितर मनांतु कर्मा पासून प्राप्त जावचे फ़लाचि आशा धरता. ''योगी तथा संन्यासी जगतमें । एक है, भिन्न माने तू तनमें । देखें जब दोनों विचारांतमें । एक ही है ॥ छोड दो, दो नामक आभास । वही योगी और वही संन्यास । जैसे ब्रह्ममें ना अवकाश । वैसे दोनोंमें देख ॥ अजी! भिन्न भिन्न नामसे अजैसे । बुलाते एक ही पुरुषको वैसे । अथवा जाते हईं गो भिन्ना मार्गसे । एक ही स्थान ॥'' (ज्ञानेश्वर).

साधारणत: संसारांतु धन–धान्य, ऐश्वर्य–वैभव, सत्ता–संपती मेळोवचे खातिर कर्म करचांतु येता, शिवाय लोक कल्याणा खातिर यज्ञ कर्म म्हण्णुं न्हंय. लोक कल्याणा खातिर करचांतु येवचें कर्म, सेवा, दान, दर्मकार्य वास्तवांतु इहलोकांतु धन–धान्य, ऐश्वर्य–वैभव, सत्ता–संपती अभिवृध्दि आनि परलोकांतु स्वर्ग सुखा प्राप्त जावचे खातिर आसता. इहलोकांतु आनि परलोकांतु सुख प्राप्त जावचे खातिर करचे दोन आकर्षणांचे द्वंद्वांतु अडखळत अतृप्त आनि असमाधानी आसता. कृष्णाले द्रिश्टीन इहलोकांतु किंवा परलोकांतु सुख समाधान् प्राप्त जावचे खातिर कसलेंयि त्याग करचें आवश्यक ना, जर तो जें मेळता तें परमात्मालो प्रसाद रूपान दिलिलें आसा म्हण्णुं अनासक्त आनि त्यागबुद्धीन स्वीकारता. कारण जर यज्ञकर्म, जप–तप, उपवास–त्याग स्वर्ग प्राप्ति खातिर केलें तर तें सर्व एक द्रिश्टीन आसक्ति जावनुं केलिलें कर्मचि आसता. ज्ञानी मुनिलें लक्ष्य निष्काम कर्म यज्ञ कर्म म्हण्णुं करचें आसता, स्वर्ग सुख किंवा परमात्माले दर्शन घेबवाक सुद्धां न्हंय. आनि योगनिष्ठ जालिले मुनीलें मनांतल्यान सर्व संकल्प विसर्जन जावनु सनात्व प्राप्त करचें हें तागेलें लक्ष्य जाता – ''आरुरुक्षोर्मुनिर्योगं कर्म कारणमुच्यते । योगारूढस्य तस्यैव शम: कारणमुच्यते ॥''.

समत्व बुद्धीचे योगाक कृष्ण आरुरुक्षयोग म्हण्णुं संबोधन करता. समत्व बुद्धीचे योगीक यात्रा आप–आपण्याले गुण स्वभावाक लागून करचें आसता. पुण सर्व सामान्य मनुष्य भायरचे वातावरणान प्रभावित जावनुं इंद्रियांचे सुखा खातिर अन्न सेवन करता, श्रम घेता, कश्ट करता, आराम करता, निदता, जागो आसता. भितर आइल्ले परमात्माक प्राप्त करचे खातिर किंवा अध्यात्मिक सुखा प्राप्त जावचे खातिर शरीर सुधृढ आसचाक अन्न सेवन करना, श्रम घेना, कश्ट करना तितलेंचि न्हंय तर मार्ग चलचाक प्रयत्न सुद्धां करना. जे तरेन भूक लागिलो मनुष्य जेवण जेवचाक वेग–वेगळे पदार्थ शोधता ते तरेन संसारंतल्यान मुक्त जावनुं मोक्ष प्राप्त जावचाक मनुष्य अध्यात्माचे वेग–वेगळे मार्ग शोधना. जे तरेन भूक लागिलो मनुष्य जेवणाचे वेग–वेगळे अन्न तयार करचे किंवा वेग–वेगळे तरेन जेवचे प्रक्रिया जाणचांतु समय व्यर्थ सोंपयना ते तरेन परमात्माले दर्शना घेवचे खातीर तळमळचो साधक शास्त्रांतले समत्व योगाचे वर्णन शास्त्रांतले आयकुवचाक किंवा परमात्माक प्राप्त करचे वेग–वेगळे मार्ग समजूवनुं घेवचाक समय व्यर्थ सोंपयना. जो मार्ग ताका गुण स्वभावाक अनुरूप दिसता तो स्वीकारनुं मनांतल्यान सर्व संकल्प त्याग करनुं निर्द्वंद्व जावनुंपरमात्मालें एकमात्र, अद्वैत – अद्वितीय अस्तित्व पळयत भोगाचो विचार योगांतु परिवर्तन करनुं परमात्माले द्वार खटखटावचाक सक्षम योगी म्हण्णुं घेवचाक अधिकार प्राप्त करता – ''यदा हि नेंद्रियार्थेषु न कर्मस्वनुषज्जते । सर्वसंकल्पसंन्यासी योगारूढस्तदोच्यते ॥''. ''जलानेसे सोना हीन कस । होता है जो विशुद्ध सरस । वैसा जीवका भ्रमत्व खास । मिले संकल्प लोपसे ॥ घटकारके मिटनेपर जैसे । घटाकाश मिलनेमें आकाशसे । जाना नहीं लगता अन्यत्र जैसे । वैसे अर्जुन ॥ ... जिस दिशामें जाता है भास्कर । प्रकाश फ़ैलता है उसी ओर । जिसका स्वरूप है वही स्थिर । दीखता सतत । मेघके गिरि वर्षाकी धार । न चुभे जैसे कभि सागर । वैसे शुभाशुभ योगेश्वर । नही अनुभवता ॥'' (ज्ञानेश्वर).

साधारणत: मनुष्याक सुख–यश जाय, दु:ख–अपयश नाका, असलि संभवना मनुष्याक केन्नांयी प्राप्त जायना. सुख–यश तेचि तरेन दु:ख–अपयश परमात्मानचि मनुष्याले कर्म कर्तव्याक अनुसरून दिलिलें प्रतिफ़ल

आसता. भागवत पुराणांतु वृत्तासुर इंद्राक सांगता किं परमात्मा तागेलें भक्तांक काम, क्रोध, लोभ, मोह, मद आनि मत्सर हे नकारात्मक गुणांक लागून मेळचें धन-धान्य, सुख-समाधन, संपत्ती-ऐश्वर्य अनेक प्रसंगांतु दीना. आनि जर प्राप्त जालिलें धन-धान्य, सुख-समाधान, संपत्ती-ऐश्वर्याक लागून जर भक्तालें मनांतु काम, क्रोध, लोभ, मोह, मद आनि मत्सर निर्माण जाता तर प्राप्त जालिलें धन-धान्य, सुख-समाधान, संपत्ती-ऐश्वर्य परत काडनुं घेता. तेन्नां समजका किं देवान दिलिलि हि एक चेतावणी रूपान केलिलो एक अनुग्रह आसता – ''पुंसां किलैकांतगियां स्वकानां याः संपदो देवि भूमौ रसायाम् । न राति यद् द्वेष उद्वेग आधिर्मदः कलिर्व्यसनं संप्रयासः ॥ त्रैवर्णिकायासविघातमस्मात्पतिर्विधत्ते पुरुषस्य शक्रः । ततोऽअनुमेयो बगवत्प्रसादो यो दुर्नभावोऽकिंचनगोचरोन्यैः ॥''.

कृष्ण एक महान् मनोवैज्ञानिक आसा. तो पूर्ण तरेन अर्जुनालि मनस्थिति जाणता. देकून तो अर्जुनाक सांगता किं आत्मा स्वतंत्र आसल्यारियी इंद्रियांचे आकर्शण आनि विकर्शण शक्तीक लागून मनुष्यालें मनावयर अज्ञानाचें पांघरूण पसरिल्यान तो परतंत्र आसता. इंद्रियांचे आकर्शणाक लागून मनुष्याक परतंत्र जवचें सुलभ आसता, इंद्रियांचे आकर्शणाक लागून प्रभावित जायत नासताना स्वतंत्र आसचें कठीण आसता. इंद्रियांचे आकर्शणाक लागून मनुष्याक स्वतःचे आत्माचो शत्रु जावचें सुलभ आसता,इंद्रियांचे आकर्शणाक लागून प्रभावित जायत नासताना आत्माचो मित्र जावचें कठीण आसता. शत्रु जावचाक एक क्षण लागता. मित्र जावचाक समय लागता, एक जीवनबी पुरे पडना. दुसर्यां बरोबर मैत्रि साधचें कदचित् सुलभ आसता पुण स्वतःचे बरोबर मैत्रि करचें अत्यंत कठीण आसता. मनुष्यान इंद्रियांवयर स्वामित्व दाखोवचाक जाय, इंद्रियांचे दासत्व स्वीकारचें न्हंय. देकून जीवनांतु मनुष्यान कर्म करताना इंद्रियांचो उपयोग जितलें करचें आवश्यक आसता तितलेंचि इंद्रियां वयर संयम दवरचें सुद्धां आवश्यक आसता. जो इंद्रियान आसक्त जायना तो फ़लाचे आकर्षणान आसक्त आसचो ना. जो फ़लांतु आसक्त ना तो स्वभाविक आपण्यान करचें कर्मांतु आसक्त आसचो ना. इंद्रियां वयर संयम दवरनुं प्रभुत्व अध्यात्मिक पातळीवयर साधल्यार इंद्रियां मित्र जावनुं मनुष्यालें जीवन उर्ध्वगतीचे दिशेन विकसित जातालें. इंद्रियां वयर संयम दवरत नासताना दासत्व स्वीकारल्यार इंद्रियां शत्रु जावनुं मनुष्यालें जीवन भौतिक पातळी वयर अधोगतीचे दिशेन रूपांतरित जातालें.

ध्यानांतु दवरका किं इंद्रियांचे प्रभावान अधोगतीचे दिशेन जीवन बिघडावनुं अज्ञानी मनुष्यालें आत्माचो विनाश जावचें जितलें निश्चित आसता तितलेंचि योगसाधनेन ऊर्ध्वगतीचे दिशेन जीवन घडोवचें आत्मोद्धार करनुं घेवचें निश्चित ज्ञानी मनुष्याक साध्य आसता. कर्म केलिल्यान कर्म फ़ल प्राप्त जावचें ताका जितलें साहजिक आसता तितलें पाप्त जावचे फ़लापासून तटस्थ आसचें महत्वाचें पुण कठीण आसता. देकूण जर स्वतःचे शरीर जें साधन शत्रु तरेन वापरनुं इंद्रियांचो भोग नकारात्मक रीतिन केवल भोगचाक वापरता तर अज्ञानाचें पांघरूण तागेले मना वयर आशिल्यान ताका इंद्रियांचे प्रभुत्व स्वीकारनुं अधोगतीचे दिशेन वच्चें शिवाय गत्यंतर आसचें ना. परमात्मान चेतन अचेतन स्रिश्टींतु केवल मनुष्याक दिलिलि विवेक बुद्धि वापरनुं आपण्यालें जीवन सृजन करचाक जाय. ते प्रयत्नांतु योगकर्म करत मार्ग चलचें आनि लक्ष्य साधचें साधकालि आसल्यारियी गुरूलें मार्गदर्शन आनि परमात्मालि कृपाद्रिश्टि निश्चित सहाय्यक जाता – ''उद्धरेदात्मानं नात्मानमवसादयेत् । आत्मैव ह्यात्मनो बंधुरात्मैव रिपुरात्मनः ॥''. जर तो स्वतःचे शरीर एक साधन, एक मित्र म्हण्णुं माननुं अज्ञानाचें पांघरूण प्रेमान दूर करता तर तागेलि विवेक बुद्धि जागी जालिल्यान तो इंद्रियांचे प्रभुत्व स्वीकारचो ना. आनि ऊर्धगती दिशेन प्रवास करत परमामालें परम पद प्राप्त करता. इंद्रियांचे आकर्शण सकारात्मक रीतीन वापरनुं मनुष्य पुण्य प्राप्त करू शकता; इंद्रियांचे आकर्शण नकारात्मक रीतीन वापरनुं ताका पाप भोगचें पडता. इंद्रियं इहलोकांतु शरीर सुखाचें साधन, उपकरण म्हण्णुं वापरल्यार मनुष्याक परलोकांतले परम सुख कशें प्राप्त जातालें? इंद्रियं परलोकांतले परम सुखा खातिर साधन, उपकरण म्हण्णुं वापरल्यार मनुष्याक परलोकांतले सच्चिदानंद स्वरूप समाधान प्राप्त जालें शिवाय कशें उरतालें?

देकून कृष्ण अर्जुनाक सांगता किं स्वतःचे आत्मालो मित्र केवल आपूणचि जावू शकता, दुसरे न्हंय. स्वतःचे जीवन स्वतः घडोव्वू शकता, दुसरे न्हंय. मित्र ते जावूं शकताचि, जे एकमेकां विशय प्रेम, आदर आशिल्यान शुभ, हित चिंतन करताचि. विवेक बुद्धीक लागून आपूण आपूण्याले आत्माचो मित्र जावू शकल्यार तो दुसर्यंले आत्माचो मित्र जावू शकतालो. स्वतःचे अध्यात्मिक विकासा खातिर स्वतःचे आत्मालो मित्र जावनुं इंद्रियांक दिशा दाखोवनुं तो दुसर्यंले इंद्रियांक दिशा दाखोवूं शकतालो. हें धर्माचें लक्षण जावनुं आसता. स्वतःचे जीवन स्वतः तोडचें हें अज्ञानी मनुष्याले अधार्मिक लक्षण जावनुं आसता – ''बंधुरात्माऽऽत्मनस्तस्य येनात्मैवात्मना जितः । अनात्मनस्तु शत्रुत्वे वर्तेतात्मैव शत्रुवत् ॥''. इंद्रियं इहलोकांतु शरीर सुखाचें साधन, उपकरण म्हण्णुं वापरल्यार मनुष्याक परलोकांतले परम सुख कशें प्राप्त जातालें? इंद्रियं परलोकांतले परम सुखा खातिर साधन, उपकरण म्हण्णुं वापरल्यार मनुष्याक परलोकांतले सच्चिदानंद स्वरूप समाधान प्राप्त जाले शिवाय कशें उरतालें?

आत्मज्ञान जावचे पयलें भौतिक ज्ञान प्राप्त करचाक जाय, एक सिद्धांत, परंपरा म्हण्णुं न्हंय पुण जे तरेन श्री शंकराचार्यांनि वेदांतले सूत्रांचो उपयोग करनुं घेवचाक सांगल्यां – ''शृतिश्च नोऽतींद्रियार्थविषये विज्ञानीत्पतौ निमित्तन् ।'' किंवा ''शास्त्रदिदमेव भवति, इदं इश्टसाधनम्, इदमनिश्टसाधनं इति साध्यसाधनसंबंधविशेषभिव्यक्तिः ॥''. सामान्यतः मनुष्यालें मन भुतकाळांतले विचारांक वर्तमान काळांतले विचार जोडनुं एक सरपळी तयार जाता जाका लागून भविष्य काळांतले विचारांक आकार प्राप्त करनुं दिता. जशें जशें मनुष्याले इच्छा–आकांक्षा बदलताचि तशें तशें मनांतले विचार बदलताचि, तशें तशें मनाचे संकलन बदलत मनुष्याले संसाराचि दिशा, दशा, अवस्था आनि अस्तित्व निश्चित जाता. जशें तागेले विचार आसताचि तशें तागेले आचरण आसता, आनि जशें तागेलें आचारण तशें तागेलें संसारांतले व्यक्तिमत्व साकार जावनुं स्वतःचें एक भिन्न, वेगळे जग निर्माण जाता. भौतिक पातळीवयर जें ज्ञान प्राप्त जाता तें अध्यात्मिक पातळीवयर एक महत्वाचें माध्यम, साधन जाता. ध्यानांतु दवरका किं कर्म केलिल्यान कर्म फ़ल प्राप्त जावचें ताका जितलें साहजिक आसता तितलें पाप्त जावचे फ़लापासून तटस्थ आसचें महत्वाचें पुण कठीण आसता.

मनुष्याले मन परमात्माक प्राप्त करचाक तेन्नांचि अनुकूल जाता जेन्नां तें थंडि–गरमि, सुख–दुःख, मान–अपमानान प्रभावित जाय नासताना शांत आनि विकाररहित आसता – ''जितात्मनः प्रशांतस्य परमात्मा समाहितः । शितोष्ण सुखदुःखेषु तथा मानापमानयोः ॥''. 'जीतात्मनः' म्हळयार जो कोण स्वतःचे अत्मावयर स्वामित्व अनुभवता तो. जेन्नां इंद्रियांवयले संयमाचि जाणीव जाता तेन्नां मनुष्याक शक्तीचो प्रयोग करचो पडना. जो आप्त, मित्र, उदासीन, मध्यस्थ, द्वेशी आनि हितैशी, धार्मिक आनि अधार्मिक हे सर्वां प्रति समसमान भावना दाखयता तो श्रेष्ठ मानव जावनुं आसता. समत्व म्हळयार संतुलन, द्वंद्वामदलो समभावाचो अनुभव. कृष्ण समत्वा विशय उत्साहान उलयता, कारण स्रिश्टींतु वेग–वेगळे, एकमेकांक विपरीत गुण स्वभावान प्रवृत्त जावचे जन आसताचि, जाका लागून सुख–दुःख, यश–अपयशा मदली संवेदना कमीं जास्त जाल्यारियी तागेले लक्ष्य एकचि आसता.

कर्म करचें जन्माक आयले पासून मरण येवचे पर्यंत स्रिश्टींतले प्रत्येक चेतन–अचेतन घटकांचें दायित्व आसता. कर्म करचें शिवाय केन्नांयी उरचें शक्य नाशिल्यान जो मनुष्य इंद्रियांक लागून भौतिक सुखा खातिर फ़लाचे आशेन कर्म करता ताका इंद्रियांन प्राप्त जावचें आनि काळांतरान नाश जावचें ऐहिक सुख मेळता. पुण जो मनुष्य मनांतु कसलेयी इच्छा कामना नासताना करचें कर्म योग्य तरेन यज्ञ कर्म म्हण्णुं करता तो इंद्रियांचे आनि आसक्ती पासून मुक्त योगारूढ जालिलो संन्यासी आशिल्यान, ज्ञान–विज्ञानान तृप्त आशिल्लो संन्यासीक विकारशून्य, संयमित, सुसंगत आनि स्वाधीन स्वयं साक्ष, स्वयं सिद्ध आनि स्वयं प्रकाशित अविनाशी सनातन परमालें अध्यात्मिक सुख प्राप्त करता. ताका अव्याकृत परमात्मालें माति, फ़त्तर आनि भांगराचे नाम–रूपान व्याकृत जालिले वस्तु पदार्थ समसमान दिसताचि. आपण्याले मित्र, शत्रु, साधु, उदासीन,

प्रतिस्पर्धी, पुणवान्, पापी हे सर्वांलें प्रति तागेलि समदृश्टी आसता – ''ज्ञानविज्ञानतृप्तात्मा कूटस्थो विजितेंद्रियः । युक्त इत्युच्यते योगी समलोष्टाश्मकांचनः ॥''. जें कोणांक परमात्मालो अंशरूपान आशिल्लें आत्माचो साक्षात्कार जायना ताका परमात्मालो साक्षात्कार दूर ना.

जर मनुष्य आपण्यालि साधन, प्रक्रिया अयोग्य तरेन वापरल्यारि मनुष्यालि चेतना अधोगती दिशेन वचून जीवात्मा आनि परमात्मा मदलो संबंध सढळ जाता. जर मनुष्य आपण्यालि साधन, प्रक्रिया योग्य तरेन वापरता तर तागेलि चेतना उर्ध्वगती दिशेन वचून जीवात्माक परमात्मा बरोबर संबंध धृढ जाता. 'विजितेंद्रिय' म्हळ्यार तो, जो कोण स्वतःचे इंद्रियांचे शक्तीचो आनि तांचे वयर आवश्यक आशिल्लें संयमाचि जाणीव आशिल्यान, सुख वा दुःखाचे भावनेन प्रभावित जायत नासताना उदार आसून मैत्रीन इंद्रियांवयर स्वामित्व साधता. हे तरेचें ज्ञान प्राप्त जालिल्यान मनुष्य सर्व आप्त, मित्र, शत्रु, द्वेशी आनि हितैशी, धार्मिक आनि अधार्मिक, उदासीन जनां प्रति समत्व, समभाव अनुभवता – ''सुहृन्मित्रार्युदासीनमध्यस्थद्वेष्यबंधुषु । साधुष्वपि च पापेषु समबुध्दिर्विशिष्यते ॥'.

मनुष्यालें अंतरात्मांतलें गुहेंतु वास्तव्य करनुं आशिल्लें परमात्मालो साक्षात्कार जावचाक कृष्ण योगाचि प्रक्रियेचो पुरस्कार करता. जें संसारांतु आसून करचें साध्य आसा ताजे खातिर संसार सोडनुं रानांतु राबचें आवश्यक ना. लक्ष्यांतु घेवका किं जरी योग प्रक्रिया भायल्यान सुरु जावनुं भितर सोंपता तरियी भायरचें शरीर स्वच्छ दवरिल्यान कार्य सोंपना, भितरलें मन शुद्ध दवरनुं परिवर्तन शुद्ध, पवित्र दवरचें आवश्यक आसता. तन – शरीर, मन आनि इंद्रिया वयर संयम दवरल्यार सुख–दुःख, मान–अपमान, हून–थंड असले द्वंद्व वृत्तीपासून प्रभावित जाय नासताना अखेरिक स्वच्छ, शुद्ध, शांत, पवित्र, वासनारहित अंतःकरणांतु परमात्मालें स्वच्छ, शुद्ध, आनि पवित्रव प्रकाशित अस्तित्व अनुभवता – ''योगी युंजीत सततमात्मानं रहसि स्थितः । एकाकी यतचित्तात्मा निराशीरपरिग्रहः ॥''.

'एकाकी यतचित्तात्मा' – सर्व साधारण सामान्य मनुष्य संसारांतु एकलोचि केन्नांयि आसू शकना, ताका दुसर्यांलि उपस्थिति, सहवास आवश्यक असता. जर जनांलो सहवास मेळो नासल्यार तो जनावर, वस्तु–पदार्थांचो सहवास शोधता. जनावर, वस्तु–पदार्थांचो सहवास मेळो नासल्यार तो तागेलें मनांतु भूत किंवा भविष्य काळांतलें इच्छा, आशा, कामना, विचार, संस्कार, स्वप्नांचो सहवास शोधता. देकून मनुष्य शरीरान संसारांतल्यान दूर गेल्यारियी, तो तागेलें मनान निर्माण केलिलें असारांतल्यान दूर वचू शकना. कारण मानुष्यालो संसार तागेलें मनान निर्माण केलिलो एक आभास आसता. शिवाय संसारांतु भौतिक जीवन जगचाक विचार एक प्रभावी शक्ति उपलब्ध जावनुं आसा. देकून जर मनुष्याक  संसार सोडनुं एकांत अनुभवचो आसल्यार ताका पयलें मनांतलो हो संग्रह विसर्जन करचें आवश्यक आसतालें. एकांत म्हळयार मनुष्यालें मनाचे विचार आनि शरीराचे आचार स्तब्ध जावचें आसता. कठोपनिषद म्हणता ''यदा पंचावतिष्ठंते ज्ञानानि मनसा सह । बुद्धिश्च न विचेष्ठति तामाहुः परमां गतिः ॥'' – जेन्नां मनुष्य आपण्यालें पंचेंद्रियं, मन स्तब्ध आसून बुद्धि सुद्धां स्थिर करता ते स्थितीक योग म्हणताचि.

जे तरेन मनुष्याक पोंवचें कशें हें वर्णन करनुं शिखोवचाक येना तर ताका उदकांतु उतरनुं पोंवचें पडता ते तरेन योग शिखोवचाक साधचाक जायना, तर प्राप्त जालिलें मन, वाणि, प्रण, बुद्धि, अहंकाराक, इंद्रियां वयर प्रभुत्व साधनुं एक स्वच्छ जाग्या वयर बसून, बुद्धी निश्चल आनि द्रिश्टि स्थिर, एकाग्र करनुं मनांतल्यान सर्व विचार समूळ नश्ट करचें आसता – ''शुचौ देशे प्रतिष्ठाप्य स्थिरमानसनमात्मन्ः । नात्युच्छ्रितं नातिनीचं चैलाजिनकुशोत्तरम ॥ तत्रैकाग्रतं मनः कृत्वा यतचितेंद्रियक्रियः । उपविष्यासने युंज्याद्योगमात्मविशुद्धये ॥''.  आनि जे तरेन ज्योति वारो नाशिल्लें वातावरणांतु स्थिर, अकंप, निष्कंप प्रज्वलित आसता ते तरेन मन आनि अंतःकरण स्थिर आनि निश्चिंत जालिल्यान साधक योग साधनेन परमात्मांतु अविरत स्थिर आसता.

एकांत म्हळयार स्रिश्टींतु रूप–आकारांतु व्याकृत जालिलें अनेक जन–जनांवर, पशु–पक्षी, वन–वनस्पतींतु आपूण सर्वां पेक्षां वेगळो, भिन्न आनि विशिश्ट म्हण्णुं समजत नासताना आपूण ते प्रशस्त, प्रदीर्घ,

व्यापक, अव्याकृत परमात्मालो एक अंश म्हण्णुं मान्य करनुं मान्य करनुं तन, मन आनि अंत:करण परमात्माक समर्पित करचें जाका लागून जीवात्मा परमात्माले ते पूर्ण, व्यापक अस्तित्वांतु विरगळतालो. एकांत म्हळयार तो क्षण जेन्नां अंतरात्मालो आनि परमात्मालो संगम जावनुं थंय परमात्मालो अनाहत नादब्रह्म जीवात्माले विचार आनि आचारांतु प्रत्यक्षांतु अभिव्यक्त जालिलें दिसून येता – "प्रशांतात्मा विगतभीः ब्रह्मचारिव्रते स्थितः । मनः संयम्य मच्चित्तो युक्त आसीत मत्परः ॥ युंजन्नेव सदात्मानं योगी नियतमानसः । शांतिं निर्वाणपरमां मत्संस्थामधिगच्छति ॥".

सर्व सामान्य मनुष्यालें मन संसारांतले रूप–आकारान व्याकृत जालिले वस्तु पदार्थांक लागून द्रिश्टी अस्थिर, दिशाभूल जायत द्वंद्वांतु घुटमळत, अडखळत भ्रमांतु आसता. देकून परमात्माले अव्याकृत अस्तित्वाअंतु स्थिर करचें आवश्यक आसता. मनुष्याक योग साधनेंतल्यान मन स्थिर करनुं अव्याकृत, निराकार परमात्माले दिशेन प्रवास करचाक तीन मार्ग उपलब्ध आसताचि – परमात्मालो अव्याकृत, निराकार रूपाचों ज्ञान–विज्ञान परमात्माले नाम–रूपान व्याकृत, साकार जालिले स्रिश्टींतले वस्तु–पदार्थांक माध्यम म्हण्णुं वापरनुं जाणचो ज्ञान मार्ग, किंवा स्रिश्टींतु गुण स्वभावाक लागून प्राप्त जालिले कर्म प्रजापतीन घालनुं दिलिलो धर्म संस्थेचे यम–नियमानुसार यज्ञ–कर्म म्हण्णुं पालन करचो कर्म मार्ग, किंवा परमात्मा आनि परमात्माले रूप–आकार वेगळे म्हण्णुं माननुं आपण्यालें वेगळें, विभक्त जालिलें जीवन परमात्माले व्यापक अविभक्त अस्तित्वांतु विसर्जन करचो भक्ति मार्ग. खंयचोयी मार्ग स्वीकराल्यारियी मनुष्याक स्वतःचो आत्मोद्धार करनुं घेवचाक आपण्याले मन, वाणि आनि प्राण साधन म्हण्णुं योग्य तरेन उपयोजनेंतु हाडचें आवश्यक आसता.

योग जीवनाचें आभूषण आसता, जें ताका परमात्माले दर्शन घडयना. भौतिक पातळिवयर मन विचार करू शकता, भौतिक पातळिवयर अध्यात्मिक चिंतन, मनन, ध्यान करचें शक्य ना. कारण जी शक्ति संसारांतु भौतिक पातळीवयर आवश्यक आसता तीचि अध्यात्मिक पातळीवयर अडथळे निर्माण करू शकता. देकून पयलें भौतिक विचारांचो संकलन मनांतल्यान विसर्जन करचें पडता, तेन्नांचि थंय अध्यात्मिक चिंतन, मनन, ध्यान शक्य जाता. अध्यामिक अनुभव साधचाक भौतिक पातळीवयर उपलब्ध आशिल्ले साधनं मैत्रीन संभाळचाक जाय, शत्रुरूपान न्हंय. इंद्रियां वयर स्वामित्व सांभाळताना मैत्रिबी वाढोवका. जो मनुष्य मनांतले भौतिक विचारां पासून अलिप्त आसू शकता तोचि परमात्मा बरोबर लिप्त, जावू शकता. मनुष्यान भौतिक पातळीवयर केवल विचार करू शकता, चिंतन करू शकना, जें इंद्रियां वयर संयम आनि मनांतले सर्व संकल्प विसर्जन केलिल्यान केवल चिंतन न्हंय तर, मनन आनि ध्यान धारण शक्य जाता. ध्यान धारण योग साधनेंतु एक महत्वाचें साधन, प्रक्रिया, कार्यक्रम जावनुं आसता. योग साधनेन हे तरेन योग्य माधमांतल्यान योग्य रीतीन मन स्थिर करनुं एकांतांतु अंतःकरण शांत आनि वाणि मौनांतु साधल्यार उपलब्धीचे रूपान अनुभव, स्थिति, अवस्था, यश वीज चमकले तरेन परमात्मालो साक्षात्कार प्राप्त जाले शिवाय उरचो ना.

परिणामतः केवल हे माध्यमांतल्यान चेतना संतुलित, समत्व, मन शांत, स्वस्थ आनि भयरहित दवरनुं आनि इंद्रियावयर संयम स्थिर करनुं, परमात्मालें स्मरण सुद्धां नित्य निरंतर साधनुं परमात्मालें परम पद, शांति, सुख आनि आनंद, परमात्माले परम पद अनुभवचांतु येता – "युंजन्नेवं सदाऽऽत्मानं योगी नियतमानसः । शांतिं निर्वाणपरमां मत्संस्थामधिगच्छति ॥". 'नियत मानसः' म्हळयार जे तरेन श्वास भायर–भितर, जागें–निदिलो आसताना नित्य निरंतर चलत आसता ते तरेन एक क्षणबि परमात्मालें विस्मरण जाय नासताना नित्य निरंतर स्मरण करचें. 'निर्वाणपरमां' म्हळयार शरीर म्हळयार आपूण हे भावने पासून परावृत जावनुं शरीराचे भितर आशील्ले आत्मांतु संलग्न जावचें. साधक जेन्नां इंद्रियान प्रभावित जावचे शरीरा भितर आशिल्ले परमात्मालोचि अंश जावनुं आशिल्ले आपण्याले आत्माचो अनुभव घेता तेन्नां तो परमात्माले परम पदाचे लागीं येत आसा म्हण्णुं जाणचाक जाय. "ऐसे शरीरके बाहर । पडा अभ्यासका पाखर । मनका चांचल्य भितर । धीमा

पडता ॥ कल्पना है मिटती । प्रवृत्ति भि घटती । तन–मनको शांति । मिलती आप ॥ क्षुधा गयी है कहां । निद्रा रहति कहां । न है स्मरण यहां । मनमें भी ॥'' (ज्ञानेश्वर).

परमात्माले परम पदाचे लागींचे स्थान ताकाचि आनि तेन्नांचि प्राप्त जाता जेन्नां मनुष्य आपूण परमात्मा पासून वेगळों ना तर परमात्माले बिंबाचे पतिबिंब जावनुं आसा म्हण्णुं माननुं भौतिक पातळीवयर पतिबिंब रूपान आशिल्लें आपण्याले शरीर, मन आनि वाणी वयर संयम आनि नियंत्रण दवरता. कारण केवल सुस्थितींतु आशिल्लें शरीर पुरुषार्थ साधचांतु सहाय्यक जाता – ''शरीरमाद्यं खलु धर्मसाधनम् ।'' म्हण्णुं कालीदासांनि सांगल्यार ''धर्मार्थकाममोक्षाणाम् आरोग्यं मूलमुत्तमम् ॥'' आनि ''पुनर्वित्तं पुनर्वित्तं पुनर्भार्या पुनर्मही । एतत्सर्वं पुनर्लभ्यम् न शरीरं पुनः पुनः ॥'' हें सुभाशित जावनु आसा.

कृष्णान सांगचे समत्व, संतुलन, संयोजन सकारात्म द्रिश्टिकोण साधून जीवनांतु शरीराचें सामर्थ्य वाढोवचें आनि नकारात्मक शक्तींक, संघर्षांक धैर्यान प्रतिकार करचें आसता. शास्त्र सांगता किं जीवनांतु आहाराचि, श्रमाचि, आरामाचि पराकोटि कर न्हंय तर समन्वय, संतुलन साधचें अपेक्षित आसता. आहार म्हळयार केवल जेवचें जेवण मात्र न्हंय, तर इंद्रियां मुखांतर सेवन करचे वेग–वेगळे वस्तु, पदार्थ इंद्रियांचो आहार आसता. जीवनांतु आहार जरियी महत्वाचो आसता तरियी मनुष्यान आहार जास्त सेवन करचें न्हंय किंवा कांयी सेवन करत नासताना आसचें न्हंय, जास्त समय जगो आसचें किंवा जास्त समय निदचें न्हंय, जास्त श्रम घेवचो न्हंय किंवा जास्त विश्राम घेवचो न्हंय. जेवण घेताना पोट अर्ध भरका, उरिलें पोट उदकान आनि वायु संचारचाक – ''अर्धं सव्यंजनान्नस्य तृतीयसय उदकस्य च । वायोः संचराणार्थं तु चतुर्थमवशेषयत् ॥''. मनुष्यान जितलें आवश्यक आसता तितलेंचि जेवका.

देकून जो मनुष्य इंद्रियान सेवन करचे सर्व तरेचे आहार अनियमतेन सेवन करता ताका योग साधचो ना – ''नात्यश्नतस्तु योगोऽस्ति न चैकांतमनश्नतः । न चातिस्वप्नशीलस्य जाग्रतो नैव चार्जुन ॥''. जो जास्त जेवता ताका उपवासाचि गरज आसता, जो जास्त निदता ताका जागें आसचे गरज आसता, जो जास्त श्रम करता ताका विश्रांतिचि गरज आसता. जो जास्त उपवास करता ताका जेवण घेवचें आवश्यक आसता. जो जास्त जागो आसता ताका निदचें आवश्यक आसता. जो जास्त विश्रांति घेता ताका श्रम घेवचें गरज आसता.

योग ताकाचि लाभता जाका जीवनांतु संतुलन आनि समन्वय आसता. जो हें साधना तो ध्यान, योगा पासून दूर आसता. जे मनुष्यालें मन आशा–आकांक्षा पासून मुक्त आसता ते मनुष्याले जीवनांतु आत्मा स्थिरावता, जे स्थितीक कठ उपनिषद योग म्हणता – ''तं योगमिति मन्यंते स्थिरामिंद्रियधारणाम् ।''. इंद्रियां वयर नियंत्रण दवरिल्यान मनांतु उठचे सर्व इच्छा, आशा, वासना, कामना आनि संकल्प विसर्जन जावनुं मन शांत, निश्चिंत आनि निःशेष करता. जो मनुष्य हें जाणनुं संसार जोडता तो बुद्धी आनि चित्त सुस्थिर जालिल्यान संसारांतु सुख–दुःखाचे दडपणा सकयल आसचो ना. कृष्ण सांगता किं जो मनुष्य योग्य आहार, योग्य समयाक, योग्य रीतीन योग्य प्रमाणान सेवन करता तोचि योग साधनुं सर्व दोशांतल्यान मुक्त जाता. जेन्नां सर्व इंद्रियां वयर संतुलन आसता, विषय वासनेन, आशा–आकांक्षेन प्रभावित जाय ना, मन पूर्ण तरेन अनासक्त, संवेदन शक्ति सचेत, प्रज्ञाशील आसून सताना योगाचि योग्य साधना योग्य तरेन करता तेन्नां तागेले मनांतल्यान सर्व संकल्प समूळ नाश जावनुं तो संसारांते सर्व बंधनांतल्यान मुक्त जावनुं परमात्मांतु शुद्ध, पवित्र, संयमित आनि शांत जावनुं संलग्न जावचाक अधिकार प्राप्त जालिलो योगी आसता – ''यदा विनियतं चित्तं आत्मन्येवावतिष्ठते । निःस्पृहः सर्वकामेभ्यो युक्त इत्युच्यते तदा ॥''. तेन्नां जे तरेन वार्याचे झुळकाक लागून ज्योत हालना ते तरेन तागेलें मन निश्चल आसून आंतरात्मांतु स्थिर जाता – ''यथा दीपो अनिवातस्थो नेंगते सोपमा स्मृतः । योगिलो यतचित्तस्य युंजतो योगमात्मनः ॥''. तो आपण्याले जीवात्मांतु परमात्मा पोळोवनुं सुख आनि समाधान अनुभवता – ''यत्रोपरमते चित्तं निरुद्धं योगसेवया । यत्र चैवात्मनात्मानं पश्यन्नात्मानि तुश्यति ॥''.

हे तरेन साधना केलिल्यान जें जाणचें आसता तें एक क्षणांतूचि जाणचांतु येतालें. खंय ज्ञेय – जें जाणचें आसता, ज्ञाता – जो जाणता आनि ज्ञान – जें जाणचांतु येता हे तरेन एकमेकांतु फ़रक नासताना सर्व ज्ञान विज्ञानांतु परिवर्तित जालिलो अनूभव प्राप्त जाता. कर्म मार्गान प्रवास करचो मनुष्यान आपण्याक ज्ञात आशिल्लो वायट गुण निर्मूळ, नाश केलो तर केलिलें सर्व कर्म यज्ञ–कर्म म्हण्णुं परमात्माक समर्पित केलिल्यान कर्ता, कार्य आनि कर्म हांतु समन्वय साधता. जाका लागून जे तरेन आकाशांतलो ढग दूर जालो किं सूर्यालो प्रकाश अनायास आनि स्वाभाविक पसरतालो, जे तरेन फ़ूल फ़ुलतालें, परमळ सर्वत्र दरवळतालो, ते तरेन तागेलो बरे गुण उजवाडाक येवनुं प्रकाशित आनि प्रभावित जावनुं परमात्माक प्रवेश दिवचाक द्वार उघड आसतालें. भक्ति मार्गान प्रवास करचो मनुष्य आपण्यालो मन, वाणि आनि अंत:करण परमात्माक समर्पित करनुं आपण्यालो विभक्त जालिलो अस्तित्व परमात्मालो अविभक्त अस्तित्वांतु विसर्जन करनुं सत्यस्वरूप भक्त जाता. तेन्ना थंय बिंबरूपान साकार परमात्मा आसना प्रतिबिंबरूपान जीवात्मा आसना केवल केवल निराकार, अव्याकृत सत् अस्तित्व आसता. योगी ज्ञानी जायना, ज्ञान जाता; कर्म करचें पडना, सर्व कर्म जाता; भक्ति करचि पडना, सर्व भक्त जाताचि; किंबहुना परब्रह्म शिवाय थंय अन्य कांयी आसचें ना.ज्ञानी मनुष्य मन शुद्ध, शांत आनि पवित्र आनि अंत:करण स्थिर आनि चेतना निश्चिंत करनुं योगयुक्त, संलग्न जावनुं परमात्मालो परमानंद अनुभवत, इंद्रियांचे पेलत्डेन आशिल्लो अव्यय, अक्षय स्थान प्राप्त करता – ''सुखमात्यंतिकं यत्तद्बुद्धिग्राह्यनतींअद्रियम् । वेत्ति यत्र न चैवायम् स्थितश्चलति तत्वत: ॥''. प्रयत्न करता. ताका लागून भविष्य काळांतु ताका वेगळें कसलेंयि करचें आसचें ना, कसलेंयि मेळोवचे आसचें ना, सर्व आशा–आकांक्षा, विचार विसर्जन जालिल्यान तो सुखान किंवा दु:खान प्रभावित जावचो ना. जशें तागेलो मनांतलो विचार आसतालो ते तरेन तागेलो आचरण आसतालें. मन शांत, अंत:करण पवित्र आनि उघड, श्रद्धावान जालिल्यान अध्यात्मिक विज्ञानाचे शुद्ध, सूक्ष्म, सच्चिदानंद स्वरूप निश्चयान पवित्र प्रतिबिंब भौतिक आचरणांतु व्यक्ता जालिलें जाणवतालें – ''यं लब्ध्वा चापरं लाभं मन्यते नाधिकं तत: । यस्मिन् स्थितो न दु:खेन गुरुणापि विचाल्यते ॥ तं विद्याद्दु:खसंयोगवियोगं योगसंज्ञितम् । स निश्चयेन योक्तव्यो योगोऽनिर्विण्णचेतसा ॥''. आनि हे तरेन रूपांतर, परिवर्तन जालिलो मनुष्य ऋग्वेदांतु ऋशीलो तरेन – ''वेदाहं एतं पुरुषं महांतं आदित्यवर्णं तमस: परस्तात् । तामेव विदित्याति मृत्युं एति नान्य: पंथा विद्यते अयनाय ॥'' म्हण्णुं सहज आनि अनायास उद्गार काडतालो.

योग परमात्मा किंवा आत्मा विशय व्याख्या करना. योग एक सिद्धांत न्हंय तर एक कला, साधना, पक्रिया, प्रयोग, एक महत्वाचे शास्त्र आसता जें मनुष्याक आपण्यालो अंतरात्मांतु उतरनुं परमात्मालो दर्शन घेवचाक प्राप्त जालिलि आसा. योग अध्यात्माचे प्रवासांतु एक माध्यम जावूं शकता, लक्ष्य न्हय. योग तेन्नांचि सफ़ल जाता जेन्नां परमात्मालो बरोबर संबंध जोडचाक परमात्मालें विस्मरण स्मरणांतु परिवर्तन करचांतु येता.

देकून कृष्ण योगाचि प्रक्रिया विस्तारान सांगता. जर मनुष्यान जन्माक आयिलें लक्ष्य, जीवनांतलो आदर्श पूर्ण जावचे आसल्यार ताका ऊर्ध्वगतीचो सकारात्मक मार्ग स्वीकारनुं पयलें इंद्रियांचे प्रभावाक लागून विकृत जालिलो मनांताल्यान भूत काळापासून निर्माण जालिलें विचारांचे संकलन उध्वस्थ करनुं केलिलो प्रत्येक विचार, केलिलें प्रत्येक कार्य, आचार विसर्जन करचाक जाय. शांत जालिलो मनांतु विंगड कसलेयी विचार हाडनासताना परामात्मांतु स्थिर करनुं परमात्मा शिवाय कसलेयी विंगड विषयांचे चिंतन कर नासताना परमात्मालो अवतरणाक संधि दीवका – ''संकल्पप्रभवान्कामांस्त्यक्त्वा सर्वानशेषत: । मनसैवेंद्रियग्रामं विनियम्य समंतत: ॥ शनै: शनैरुपरमेद्बुध्या धृतिगृहीत्या । आत्मसंस्थं मन: कृत्वा न किंचिदपि चिंतयेत् ॥''.

परमात्मालो शोध घेवचाक खंयियी प्रवास करचें आवश्यक ना. जेन्नां जेन्नां मनावयर अज्ञानाचि सावळी पडिल्यान संसारांतलो विषय वासनेन मन आकर्शित जावनुं चंचल, अस्थिर, असंतुलित जाता तेन्नां तेन्नां मनुष्याक प्रयत्न करनुं सावकाश सावाकाश तें मन आकर्शान्ण करचे ते ते विष्यां पासून प्रकाशचे दिशेन फ़िरोवचाक जाय – ''यतो यतो निश्चरति मनश्चलमस्थिरम् । ततस्ततो नियम्य तदात्मन्येव वशं नयेत् ॥''. हे तरेन

योग साधना केलिल्यान स्वैरवृत्तीन अस्थिर जालिलें मन आत्मांतु स्थिर जावनुं ताका परमात्माले शिवाय अन्य कसलेंयी कर्म करचें आसचें ना, अन्य कसलेंयी प्राप्त करचें आसचें ना. हे तरेन संयमित आनि संतुलित जालिले अंतरात्मांतु अप्रतिम सुख, समाधन प्राप्त जालिल्यान तो सर्व दु:खांतल्यान तो मुक्त जावनुं ब्रह्मपद प्राप्त करतालो – ''प्रशांतामनसं ह्येनं योगिनं सुखमुत्तमम् । उपैति शांतराजसं ब्रह्मभूतमकल्मषम् ॥''.

प्रकाश आनि अंध:कार हे जीवनाचे दोन पैलू आसताचि. उपनिषद सांगता किंदेव आनि असुर हे दोग्गंयि प्रजापतीलेचि आपत्य जावनुं आसताचि. जे तरेन मनुष्याक यौवनावस्थेचें महत्व म्हांतारो जाले तेन्नां जाणवता ते तरेन प्रकाशाचें महत्व अंध:काराक लागून, ते तरेन ज्ञानाचें महत्व अज्ञानाक लागून, जीवनाचें महत्व मरणाक लागून जाणवता. देकून मनुष्यालें लक्ष्य ''असतो मा सद्गमय, तमसो मा ज्योतिर्गमय, मृत्योर्मामृतं हमय ॥'' म्हण्णुं विकसित जावचांतु नित्य निरंतर आसता.

अंध:कार, अज्ञान, मरणाअचि आपात्ति प्रकाश, ज्ञान, जीवनाचें महत्व समजिल्यान नाश जायत आशिल्यान मनुष्यान योग साधनेचे माध्यमांतल्यान जीवनांतले सर्व दोश नाश करचें अपेक्षित आसता. पुण योग साधना केलिल्यान ज्ञान–विज्ञान, प्रकाश सत्वर साधचांतु येना. जेन्नां मनुष्य योग साधनेन चित् स्थिर करनुं मन ऊर्ध्वगति दिशेन वळयता तेन्नां तो भौतिक सुख, समाधाना पेलतडेन आशिल्लो अध्यात्मिक परमानंद अनुभवता. जें घडचें आसता, जेन्नां घडचें आसता तेन्नांचि घडता. झाडावयर पिकिलें पान, पिकिलो आंबो झाडा वयर आसचें पोळोवचांतु येता. तें पान, तो आंबो तेन्नाचि पडता, जेन्नां पान, आंबो पडचो काळ, समय, क्षण येता आनि वार्याचे एक ल्हानशे स्पर्शान तें पान, तो आंबो पडता – ''युंजन्नैव सदाऽऽत्मानं योगी विगतकल्मष: । सुखेन ब्रह्मसंस्पर्शमत्यंतं सुखमश्नुते ॥''.

संसारांतु अज्ञानाचो, अशांत, अशुद्ध, अपवित्र, असंयमित, अस्थिरतेचो अंध:कार पसरिलो आशिल्यान ज्ञान–विज्ञानाचे प्रकाशाचि अवष्यकता आसता. अंध:कार दूर केल्यार प्रकाश अनायासान पसरनुं सर्व दिसचाक येतालें. परमात्माक प्राप्त करचाक खटपट करचि अवश्यकता ना; आवश्यकता आसता तें दोळ्याव्यर आशिल्लें अज्ञानाचे पांघरूण, जाका लागून मनुष्य अपन्याले पासून परमात्मा वेगळो आसता म्हण्णुं समजना तर स्रिश्टींतु निर्माण जालिले अन्य सर्व रूप–आकार सुद्धा वेगळे म्हण्णुं समजता.

'जेन्नां मनुष्य परमात्मालें सर्वव्यापी चैतन्य सर्व अस्तित्वांतु अनुभवता तेन्नां तो मनुष्य आपण्याले शरीरांतु आसचो आत्मा जे तरेन परमात्मालो एक अंश आसा ते तरेन अन्य सर्व शरीरांतु आसचो आत्मा सुद्धां परमात्मालोचि अंश जावनुं आसता म्हण्णुं अनुभवनुं तो जें आसता तें सर्व परमात्माले निराकार अव्याकृत अस्तित्व सर्व भूतजातींतु पोळोवनुं कोणांलोयी तिरस्कार किंवा द्वेश करचो ना. ईश उपनिषद म्हणता ''यस्तु सर्वाणी भूतानि आत्मन्येवानुपश्यति । सर्वभूतेषु चात्मानं ततो न विजुगुप्सते ॥ यस्मिन्सर्वाणि भूतानि आत्मैवाभूतिजानत: । तत्र को मोह: क: शोक एकत्वमनुपश्यत: ॥''. जो मनुष्य हे तरेन ज्ञान प्राप्त करता ताका कृष्ण योगयुक्तात्मा म्हण्णुं संबोधन करता – ''सर्वभूतस्थमात्मानं सर्वभूतानि चात्मानि । ईक्ष्यते योगयुक्तात्मा सर्वत्र समदर्शन: ॥ यो मां पश्यति सर्वत्र सर्वं च मयि पश्यति । तस्याहं न प्रणश्यामि स च मे न प्रणश्यति ॥''.

कृष्ण सांगता किं जो मनुष्य विश्वांतले एकमात्र अस्तित्व म्हण्णुं परमात्माक भजता तो खंयचेयी रूपांतु भजल्यारियी तो परमात्माकचि निश्चयान भजता – ''सर्वभूतस्थितं यो मां भजत्येकत्वमास्थित: । सर्वथा वर्तमानोऽपि स योगी मयि वर्तते ॥''. 'भजंते' हे शब्दाक कृष्ण भजन ताजे पेक्षां जास्त व्यापक आनि सखोल अर्थ दीत आसा. भजन ही भगवंताक आनि जनसमान्यांक जोदचि एक प्रभावी प्रक्रिया जावनुं आसता. परमात्मालें भजन करचें भाग्य तांकाचि लाबता जे कोणांक परमात्मालें विस्मरण जालिलें ना. भजन करचें म्हळ्यार व्होड व्होड अवाजान मंदिरांतु प्रतिमेमुखार भगवंताले कीर्तन करचें न्हंय, तर भजन करतानां साधकान परमात्माले सच्चिदानंद अस्तित्वांतु स्रिश्टींतले प्रत्येक जन–जनांवर, स्थावर–जंगम भूतजातीचें अस्तित्व पोळोवचें आनि भजनेंतल्यान उठचो परमात्माले सच्चिदानंद चैतन्याचो अनाहत नाद शांत मनान अंतरात्मान

भावपूर्ण जावनुं निनाद, प्रतिध्वनित जालिल्यान भगवंत आनि स्रिश्टींतले प्रत्येक जन–जनांवर, स्थावर–जंगम भूतजातींतलो अंतर नाश जावचें अंतिम लक्ष्य जावनुं आसता. भक्ति करनुं कांयि प्राप्त करचें आसना; शुद्ध भक्ति प्राप्त जाले कीं तो कसलेयि इच्छा करना, कांयी विचार करना, कोणांलो द्वेश करना, कसल्यांतु रमण करना, कसल्यानयी उत्साहित जायना – ''यत् प्राप्य न किंचिद् वांछति, न शोचति, न द्वेश्टी, न रमते, नोत्साही भवति ।'', भक्तींतु संमिलित जाले कीं तो सिद्ध पुरुष जाता, अमर जाता – ''यल्लब्ध्वा पुमान् सिध्यो भवति, अमृतो भवति, तृप्तो भवति ।'' म्हण्णुं नारद आपण्याले भक्ति सूत्रांतु सांगता.

जो मनुष्य हें स्वीकारना ताका सतत बदलचे, परिवर्तन जावचे मनाचि आनि अंतरात्माचि प्रक्रिया स्थिर जावचि ना, स्रिश्टींतलें यम–नियमांचे संतुलन जाणवचें ना. मनुष्याक सुख–यश जाय दु:ख–अपयश नाका; ज्ञान जाय अज्ञान नाका; प्रकाश जाय अंध:कार नाका. मनुष्याक दु:ख–अपयश आसल्यार सुख–यशाचि जाणीव जातालि; अज्ञान आसल्यार ज्ञानाचि अवश्यकतेचि जाणीव जातालि; अंध:कार आसल्यार प्रकाशाचि जाणीव जातालि. सुख मेळचे खातीर दु:ख, यश मेळचे खातीर अपयश, ज्ञाना खातिर अज्ञान, प्रकाशा खातिर अंधंकाराचि रूप रेषा समजचक अकलन शक्ति आनि आत्मसात् करचाक सहन शक्ति आसचाक जाय. जो मनुष्य इंद्रियान प्रभावित जाय नासताना दु:ख, अपयश, अज्ञान, अंध:काराचो जन्म, विस्तार आनि प्रभाव जाणता तो  सुख, यश, ज्ञान, प्रकाशाचो स्रोताचि रूप रेषा जाणून परमात्मांतलो परमानंद अनुभवतालो. आतां संसारांतले व्याकृत रूपां मागशीचे अव्याकृत अरूप पोळोवनुं तागेले सर्व संशय नाश जाताचि, सर्व कर्मफ़ल नाश जाताचि – ''भिद्यते हृदयग्रंथिश्छिद्यंते सर्व संशया: । क्षीयंते चास्य कर्माणि तस्मन्दृश्टे परावरे ॥''. जो मनुष्य व्याकृत रूपां मागशीचें अव्याकृत अरूप ओळखुवनूं स्वत:चे जीवन परिपूर्ण करता तो निश्चितरूपान योगी जावनुं आसता – ''आत्मौपम्येन सर्वत्र समं पश्यति योऽर्जुन । सुखं वा दु:खं स योगी परमो मत: ॥''.

''तत्रैकाग्रं मन: कृत्वा यतचित्तेंद्रियक्रिय: । उपविश्यासने युंज्याद्योगमात्मविशुद्धये ॥'' परमात्माले परम पद प्राप्त करचाक योग एक सरळ, सुलभ, सुरळीत मार्ग आसा म्हण्णुं कृष्णान सांगल्यारियी अर्जुन जाणता किं योग साधचाक मनुष्यान एक जाग्यावयर बसून इंद्रियांवयर संयम दवरनुं मन एकाग्र करचें कठीण आसता. प्रयत्न केल्यारियी मन शांत दवरचें सहसा साध्य जायना. अर्जुनाले सर्व संशय निवारण जालिले नांचि. देकून तो कृष्णाक सांगता किं जें तो सांगता तें श्रेयस्कर आसू शकता; यात्रा सुद्धां सुखद आसू शकता, परमानंद सुद्धां मेळत आसतालो. पुण शांत बसून श्रवण केलिलें ज्ञान चिंतन, मनन, ध्यान धारणा करचें  शक्य जायना कारण मनुष्यालें मन अत्यंत चंचल आसता  – ''योऽयं योगस्त्वया प्रोक्तं साम्येन मधुसूदन । एतस्याहं न पश्यामि स्थितीं स्थिराम् ॥''. इतलेंचि न्हंय तर ह ी आनि जे तरेन वारो अस्थिर आसता ते तरेन अस्थिर आसता. जे तरेन वार्याचि चंचलता, अस्थिरता दीसना पुण अनुभवचांतु येता ते तरेन मनाचि चंचलता, अस्थिरता दीसना पुण अनुभवचांतु येता – ''चंचल हि मन: कृष्ण प्रमाथि बलवद्धृढम् । तस्याहं निग्रहं मन्ये वायोरिव सुदुष्करम् ॥''.

कृष्ण अर्जुनालि कठीण समस्या जाणता. शास्त्रांतु जेन्नां भक्ति–मार्गाचो अनुरोध करचांतु येता तेन्नां भक्ति योग किंवा शास्त्रांतु सांगिले 'श्रवणं, कीर्तनं, स्मरणं, पादसेवनं, अर्चनं, वंदनं दास्यं, सख्यं आनि आत्मनिवेदनं' हे णवविधा प्रकार भक्तीचें लक्षण म्हण्णुं वर्णन केलिले आसनाम्चि तर परमात्माले अविभक्त स्थितींतल्यान विभक्त जालिले घटकांक परत सभक्त – 'मद्भाव आगत:' ब्रह्मनिर्वाणाचि ब्राह्मी स्थिति प्राप्त जावचे खातिर उपलब्ध जावनुं आशिल्ले मार्ग, साधन, माध्यम म्हण्णुं निरूपण केलिले आसताचि. भगवंतालें आनि भक्तांले मिलन भक्तींतु निर्णायक जाता. देकून भक्ति करचि आसना पुण सर्व मार्ग, साधन, माध्यमाचि निर्णय, निष्कर्श, परिणाम, पूर्तता आसता. भक्तिचि अलौकिक स्थिति प्राप्त जावचे प्रक्रियेंतु ध्यान धारणा महत्वाचि आसल्यारियी ती सतत आनि निरंतर आसना, असूं शकना कारण मन बहिर्मुख आशिल्यान ताजे वयर सतत भायल्यान क्षणान क्षण अनेक इच्छा–आकांक्षांचे प्रभाव जात असताचि. देकून कठ उपनिषदांतु योगाचि परिभाशा

– ''तं योगमिति मन्यंते स्थिरामिऔंद्रियधारणाम् । अप्रमत्तस्तदा भवति योगो हि प्रभवाप्ययौ ॥'' केलिलें तरेन ध्यान येता आनि वचत उरता.

अध्यात्मिक प्रवासांतु येवचे कश्ताछे सर्व प्रसंग जाणत आशिल्यान कृष्ण अर्जुनालि असाहयता मान्य करत म्हणता किं ध्यान धरण करचेंनिश्चित कठीण आसता पुण अशक्य न्हंय. देकून कृष्ण म्हणता – ''असंशयं महाबाहो मनो दुर्निग्रहं चलम् । अभ्यासेन तु कौंतेय वैराग्येण च गृह्यते ॥ असंयमात्मना योगो दुष्प्राप इति मे मतिः । वश्यमात्मना तु यतता शक्योऽवाप्तुमुपायतः ॥''. कारण योग्य श्रम, आभ्यास आनि प्रयत्न केल्यार केलिलें सर्व श्रमाचें फ़ल अचूक प्राप्त जाले शिवाय आसचें ना. संसार म्हळयार भूत काळांताल्यान मनावयर अनुभवांचे, विचारांचे, संस्कारांचे संकलन आसता जें मनुष्याले वर्तमान आनि भविष्य काळांतले प्रत्येक विचार आनि आचारं वयर प्रभाव घालत भौतिक पातळीवयले जीवनाक नवें नवें रूप–स्वरूप दीत आसताचि. पुण भौतिक पातळीवयले संसारांतले अनुभव, विचार, आचार, संस्कार अध्यात्मिक पातळीवयरचे प्रवासांतु अनावश्यक आसताचि इतलेंचि न्हंय तर अडथळे जावनुं साधकालें मन संभ्रमांतु घालताचि. राग म्हळयार भौतिक पातळीवयले अनुभव, विचार, आचार, संस्कारांचे विशयाचि ओढ, कांयि तरी प्राप्त करची इच्छा, आसक्ति. विशय वस्तू पासून विरक्त जावचें सामान्य घटना जावू शकता, पुण विशयां पासून अनासक्त जावनुं वैराग्य साधचें अत्यंत कठीण आसता. वैराग्य म्हळयार मनाचो वैताग न्हंय तर कांयि तरी प्राप्त करचे पासून अनासक्ति, विराग आसता. देकून भौतिक पातळीवयले सर्व अनुभव, विचार, आचार, संस्कार अभ्यासान म्हळयार परत परत प्रयत करनुं उपटून काडनुं मन रितें करचाक जाय, जाका लागून रितें जालिलें ते मनान अध्यात्मिक पातळीवयर नवीन संवेदना आनि प्रज्ञा प्रवेश करचाक अवकाश मेळतालो. वराग्येन म्हळयार भौतिक पातळीवयले अनुभव, विचार, आचार, संस्कारांचे सर्व आकर्शण अनासक्त बुद्धीन त्याग करचें आशता. विकर्षण आनि अनासक्तीक लागून वैराग्याक एक गति दीवनुं मनुष्याले सर्व जीवन पूर्ण तरेन बदलता. पुण्स् जो मनुष्य आपण्याले मना वयर नियंत्रण दवरना, ताका योगसाधान साधचि कठीण आसता. ताजे विपरीत जो मनुष्य आपण्याले मना वयर नियंत्रण दवरता, ताका योगसाधना योग्य तरेन फ़लदायक जाता.

देकून जे मनुष्याक आत्मा ऊर्ध्वगतीक व्हरचे आसा ताका पयलें इंद्रियां वयर संयम आनि मन आत्मांतु स्थिर करनुं केवल परमात्मालें चिंतन करका, जाका लागून तागेले मनांतले सर्व वासना आनि आसक्तीचे संकल्प गळनुं पडताले. जशें जशें मन शुद्ध, पवित्र आनि स्वच्छ जाताले तशें तशें विषय वासना क्षीण जालिलें मनुष्याले मन इंद्रियांचे पेलतडेन आसचे परमात्माले भूकेन तढपढत परमात्माले अनुग्रहाक आनि ज्ञान–विज्ञानाचे किरणं मनांतु प्रकाश पसरतालिं. शांत, शुद्ध संकल्पान नित्य निरंतर चिंतन करचो योगी ते योगीक सर्व कांय प्राप्त जाता जें प्राप्त करचें उचित आनि योग्य आसता. तो पाप पुण्याचे स्वंद्व कल्पने पासून मुक्त जावनुं परब्रह्म परमात्मालें उच्च कोटीचें परम पद प्राप्त करनुं अनंत, अव्यय, अक्षय आनंद अनुभवता.

सर्व सामान्य मनुष्याक भौतिक पातळीवयर प्रेम करताना, मैत्रि करताना, विषयासक्त जावनुं भोगांतु लोळत आसताना, संसार करत जीवन जगताना कसलेयी प्रश्ने त्रास दीनांचि. पुण आतां अध्यात्माचो प्रवास करचाक जेन्नां प्रयत्न करता तेन्नां योग साधताना, प्रयत्न करचें पयले असंख्य प्रश्ने पडताचि. पाय दवरचें पयले ताका जमीन स्थिर आसा किं ना म्हण्णुं खात्रि करनुं घेवचि आसा. अर्जुन ताका अपवाद ना. सर्व साधारण मनुष्य जाणता किं ताणें केलिलें कर्माचे फ़ल ताका निश्चित मेळचें आसा, जरि तो जाणना तें फ़ल केन्नां आनि खंयचे रूपान मेळचें आसा वा मेळतालें. भौतिक पातळीवयर केलिलें कर्माचे फ़ल इंद्रियांक दिसता. अध्यात्माचे पातळीवयर साधनेंतल्यान मेळचें फ़ल इंद्रियान जाणचाक जायना. सामान्यतः संभ्रमांतु आशिल्ले मनुष्याक कितले स्पश्टिकरण दिल्यारैयि तागेले मन शांत जायना. मनाचे कोपर्यांतल्यान नवे नवे प्रश्ने उठत आसताचि. अर्जुन हाका अपवाद नाशिल्लो. देकून ताका समजूवचें आसता किं जो पूर्ण तरेन श्रद्धेन योग साधना स्वीकारता पुण ताका ते प्रयत्नांतु यश मेळना तर ते मनुष्यालि स्थिति कशें आसतालि. अर्जुनाक अध्यात्माक लागून मेळचे

फ़लविशय जाणचें आसा. देकून जर मनुष्यान केलिलो प्रयत्न असफ़ल जालो, केलिलें श्रम अपूरें पडलें तर ते साधाकालि गति ती कशिं आसतालि म्हण्णुं अर्जुन कृष्णाक विचारता ''अयतिः श्रद्धयोपेतो योगाच्चलितमानसः । अप्राप्य योगसिद्धिं का गतिं कृष्ण गच्छति ॥''. तो इहलोकांतले सुख आनि परलोकाचे ब्राह्मिस्थिती पासून वंचित जावनि अस्तव्यस्त पसरचे मोडा तरेन असंतुलित जावचो नावे? तो कृष्णाक दीन उत्कंठित जावनुं तागेले मनाक पटचे तसले उत्तर दीवनुं तागेल् ओ समाधान करचाक जाय म्हणता, कारण तागेले तसले अन्य सलाहकार कोणिंयी आसचे नांचि – ''एतन्मे सण्शाय कृष्ण छेतुमर्हस्यशेषतः । त्वदन्यः संशयास्य छेत्ता न ह्युपपद्यते ॥''.

कृष्ण कर्म करचे विशय उलयत आसा, अर्जुन कर्म केलिल्यान प्राप्त जावचे फ़ला विशय विचारत आसा. जे प्रश्ने अर्जुनान विचारले ते सर्व पयलें अनेक सामान्य जनांले मनांतु उठत आसतचि, उठिले आसताचि. मनुष्याक संसारांतु केलिले कामाचें फ़ल तक्षण मेळचें अपेक्षित आसता. पुण जाणचाक जाय किं अध्यात्माचो प्रवास पर्वताचे सकयल पायथ्या पासून सुरु जाता, पर्वाताचे उत्तुंग शिखरा वयल्यान न्हंय. भौतिक पातळीवयर केलिलें कर्म, श्रवण, मनन, निधिध्यासन सर्व शिखराक पावोवचे पायर्यो जावनुं आसाताचि. जितले पायर्यो चडचांतु आयले ते चडचे, कारण आध्यात्माचे प्रवास सूरीचे धारे तरेन तीक्ष्ण, चलचाक कठीण आसा म्हण्णुं जाणत्यांनि सांगिल्लें आसा – ''क्षूरस्य धारा निशिता दुरत्यया दुर्गम्पंथस्तत्कवयो वदंति ।''. तो प्रवास दुश्चारित्र्य आशिल्ले मनुष्यांक, मन शांत नाशिल्ल्यांक, मन स्थिर नाशिल्ल्यांक शक्य जावचो ना – ''नाविरतो दुश्चरितन्नाशांतो नासमाहितः । नाशांतमनसो वापि प्रज्ञानेनैनमाप्नुयात् ॥''. जे तरेन नदी व्हांवता, अढथले आयले तर वाट काडत सागाराचे दिशेन व्हांवता ते तरेन हो प्रवास अव्याहत, नित्य निरंतर, अनंत काळ, जन्म–जन्मांतरान चलचो आसता. मनुष्याक उत्तुंग शिखर चडचें आसल्यार गुरु साधारण समजचे असले भाशेंतु सांगता किं ज्ञान–विज्ञान सकयलचे पायरी वयर सुलभ, सरळ करनुं ध्यानांतु हाडता. कारण साधना केवल इंद्रियांवयर संयम दवरिल्यान किंवा भायरचे मन बंद दवरिल्यान फ़लित जायना तर स्वतःचे अंतःकरणाचे द्वार आकाशाचे निरभ्र वातावरणा तरेन श्रद्धेन उघड दवरचें आवश्यक आसता. देव आसा किं ना हे महत्वाचें न्हंय. जर परमात्माक दिसचो ना असले नकारात्मक पातळिवयाल्यान शोध घेतल्यार तो प्रयास यशस्वी जावचो ना. जें कर्म केलिले आसा तें केन्नांयि फ़ल दिले शिवाय उरना. जो परमात्मालो शोध घेता ताका अपयश केन्नांयि येवचें ना.

कृष्णान पयलेंचि सांगिल्लें आसा किं अध्यात्माचो प्रवास करचे मनुष्यान आपण्याले गुण स्वभावाक अनुरूप कौशल्य सृजन केल्यार उचलिलो पाय मार्ग क्रम क्रमान परमात्मालें चैतन्य आत्मसात् निश्चित प्राप्त जातालें. श्रम थोडो करचें आसाल्यार चिंता ना. कृष्णान पयलेंचि सांगिल्लें आसा – ''नेहाभिक्रमनाशोऽस्ति प्रत्यवायो न विद्यते । स्वल्पमस्य धर्मस्य त्रायते महतो भयात् ॥''. ते तरेन योग साधनेंतु केलिलें खंयचोयि प्रयत्न, खंयचेंयी कार्य असफ़ल जायना. चैतन्य मनुष्यालो मूळ स्त्रोत जावनुं आसता जें अविरत, अनिर्बंध व्हांवत आसचाक जाय. व्हांवत नासल्यार समजका किं मनुष्याले प्रकृतिजन्य गुण स्वभाव आनि इंद्रियांचो प्रभाव प्रयत्नांतु आडथळे निर्माण करत आसताचि. देकून अर्जुनाका परत आश्वासन दिता – ''पार्थ नैवेह नामुत्र विनाशस्तस्य विद्यते । नहि कल्याणकृत्कश्चिद्दुर्गतिं तात गच्छति ॥''. हिमालयाचे स्त्रोतांतल्यान भायर पडनुं सागरांतु समावेश जावचे गंगेक परत स्त्रोत प्राप्ता जाले शिवाय गत्यंतर ना. परमार्थाले मार्ग विफ़ल जावचो ना किंवा दुर्गति प्राप्त जावचे ना.

जो योगी परमात्माले बरोबर आत्मभावनेन संयोजित जाला तो तपस्वी, ज्ञानी आनि कर्म करताले जनांपेक्षा श्रेष्ठ जावनुं आसा. देकून मनुष्यान प्रत्येक जन्मांतु योग साधका, फ़ल हे जन्मांतु मेळिले नासल्यार मुखा वयले जन्मांतु मेळचें अपेक्षित आसता. जन्मांतु सामान्यांतु सामान्य अशें दिसचि घटना, ल्हानसो धक्को प्रवास पूर्ण जावचाक पुरो आसता, आपण्यालें लक्ष्य – मोक्ष प्राप्त जावचाक पुरो आसता. प्रवासांतु जीवनांतु

साधकालें तन–मन शुद्ध, पवित्र जायत गेल्यार भविष्य काळांतु ताका श्रीमंतालें घरांतु, योगीलें कुळांतु जन्म प्राप्त जावचो संभव आसता – ''प्राप्य पुण्यकृतां लोकान् उषित्वा शाश्वती समाः । शुचिनां श्रीमतां गेहे योगभ्रष्टोऽभिजायते ॥ अथवा योगिनामेव कुले भवति धीमतां । ऐतद्धि दुर्लभतरं लोके जन्म यदीदृशम् ॥''.

हे तरेन जन्म घेतिलें मनुष्याक पूर्वकाळांतु केलिलें कर्म आनि कर्तुत्व स्मरण जावनुं तो परम सिद्धि प्राप्त करचाक परत प्रयत्न करता. तो अजून साधक जालिलो आसल्यारियी पूर्व जन्माचे साधनेचें स्फ़ूर्तीन वेद शास्त्रांतलें ज्ञानाचे पेलतडेन आशिल्ले विज्ञानाचो अधिकार तो प्राप्त करता – ''तत्र तं बुद्धिसंयोग लभते पौर्वदेहिकम् । अयततऐ च ततो भूयः संसिद्धौ कुरुनंदन ॥ पूर्वाभ्यासेन तेनैव ह्रियते ह्यवशोऽपि सः । जिज्ञासूरपि योगस्थ शब्दब्रह्मातिवर्तते ॥''.

जीवनांतलो प्रवास केन्नां सुरु जालो हें मनुष्य जाणना, केन्नां सोंपतालो हें जाणना. मनुष्यालें मन पयलें खंड खंडांतु विभाजन जालिलें आसता. दर एक खंडा वयर एक एक इंद्रिय ताबो घेतिल्यान ते शरीरांतलें आचरण आनि जीवन असह्य जाता. जीवनांतलें प्रत्येक वेग–वेगळे अस्तित्व मनुष्याक अप्राप्त जालिलि संधि आसता, प्रत्येक केलिलो विचार, प्रत्येक केलिलो आचार प्रत्येक अनुभव मनुष्यालें मन व्यक्तिमत्व रूपांतरित करनुं तागेलें व्यक्तिमत्वाचो भाग जाता. जेन्नां मनुष्याले इंद्रिय आनि मनावयर संयम आसना, तेन्नां मनुष्य स्वतंत्र आसना, तागेलें मन परतंत्र आशिल्यान इंद्रियं, शरीर आनि मन एकमेकां विरुद्ध कर्म करत आसता.

जेन्ना हें सर्व घडत आसताना भितर आशिल्लो आत्मा मात्र निष्काम, निःसंकोच, निःशब्द आनि शांत आसता, जशें कांय आसून आसना तेन्नां अध्यात्माचो प्रवास सुरु जाता. पुण तो केन्नां सोंपलो हें जाणचें शक्य नासल्यारियी प्रवासाचो अंतिम क्षण तो आसता जेन्नां प्रवास सोंपला हाजि जाण ताका आसचि ना, खंय ज्ञान किंवा जाणतालो आसचो ना, स्मरण आसचे ना, विस्मरण आसचे ना, श्रद्धावान जालिलें साधकाक केवल साक्षात्काराचो अनुभव आसता, साक्ष्ताकारचि परिभाशा जावचि ना. श्रद्धावान ज्ञानि ज्ञानाचि परिभाशा करत बसना. ज्ञानयोग सांगता परमात्मा विस्मरण आसा, ताका स्मरण करचें आसता. जेन्नां स्मरण करचें कार्य आनि स्मरण करचें विशय एक पातळीवयर येताचि तेन्नां तो संयोग ताका पवित्र, पुण्यदायी गंगा सागराक मेळचो समाधान प्राप्त जातालो. जें करचांतु येता, तें केलिलें आसना, तें जशें कांय अनायासान घडत आसता. आकर्षण–विकर्षण हें इंद्रियांचे प्रभावाक लागून जायत आशिल्यान जें कार्य घडत आसता ते कर्माचें दायित्व आत्मा घेअना. वर्तमान काळांतलो जन्म कदाचित् अनेक जन्म जन्मांतलो प्रवासांतलो एक विश्राम स्थान आसू शकता किंवा अखेरचो क्षण, प्राप्त जाअलिलि अखेरचो संधि आसू शकता. हो प्रवास केन्नां सुरु जालो आनि तो केन्नां सोंपतालो हाजें ज्ञान नाशिल्यान प्रत्येक जन्म सुरावातीचो आसू शकता, प्रत्येक जन्म अखेरचो आसू शकता. वाल्या कोळीक खबर जालें ना केन्नां तो वाल्मिकि जालो; तुलसीराम दुबेक कळ्ळें ना केन्नातो संत तुलसीदास जालो. कृष्ण सांगता किं परमात्मालें विस्मरण हेंचि अज्ञान, परमात्मालें स्मरण हेंचि आत्म–विज्ञान. जे तरेन स्रिश्टि परमात्मापासून सुरवात जावनुं परमात्मांतु विसर्जन जाता, ते तरेन जीवनाचो प्रवास परमात्माअ पासून सुरवात जाता आनि परमात्माक लागून तो सोंपता. आत्म–विज्ञान परमात्मालें नित्य निरंतर नामस्मरण केलिल्यान साधता. जेन्नां स्मरण करचें लक्ष्या, स्मरण करचें कार्य आनि स्मरण करचो साधक एक जाताचि तेन्नां साधक शुद्ध पवित्र जावनुं मुक्त जावनुं प्रवास सोंपता. देकून मनुष्यान आपण्यालें तन मन श्रद्धापूर्वक उघड दवरका. श्रद्धापूर्वक उघड दवरचें म्हळयार मन पूर्वगृहित विचारांनि प्रभावित जाय नासताना दवरचें आवश्यक आसता. तेन्नां अनुभव केवल शुद्ध आनि पवित्र मन, अंतःकरणांतु जाता, जो अनुभव केन्नां, खंय आनि खंयचे संदर्भांतु येतालो हें सांगचें कठीण आसता. आनि अखेरीक जन्म जन्मांतराचे शुद्ध पवित्र संकल्पनेक लागून वेदशास्त्रांतलें यम–नियमांचे पेलतडेन वचून परब्रह्म लक्ष्य साधतालो – ''प्रयत्नाद्यतमानस्तु योगी संशुद्धकल्मशः । अनेकजन्मसंसिद्धस्ततो याति परां गतिम् ॥''.

जें तरेन तो परमानंद वर्णन करचाक जायना ते तरेन परमात्मालें वर्णन करचाक जायना. परमात्मालें चितन जावू शक्ता, वर्णन जावू शकना. कारण भायल्यान शब्दान व्यक्त जावचे विचारा पेक्षा भितर मनांतु आनि अंत:करणांतु अनुभवचे चिंतन जास्त मोलादिक आसता. कृष्ण सांगता जो मनुष्य चिंतन नित्य निरंतर करता तागेलो इंद्रियान प्रभावित जावचे सर्व विषय वासना क्षीण जावनुं तो इंद्रियांचे पेलतडेन आसचे परमात्माले ताह्रेन तडफ़डता आनि तोचि परमात्माले अनुग्राहाक पात्र जाता. तोचि योगि आसून ताका सर्व कांय प्राप्त करता जें प्राप्त जावचाक योग्य आसता. पापा पासून मुक्त जावनुं आपण्यालें चैतन्य परमात्मांतु नित्य निरंतर स्थिर करचो योगी परब्रह्म परमात्मालो अनंत, अक्षय आनंदाचो अनुभव घेता.

जेन्नां कृष्ण अध्यात्म जीवन जगचें म्हणता तेन्नां तो दर दिवस वेदोपनिषादाचे पाठांतर किंवा गितेचो एक तरि अध्यायाचे पाठ–पठन करचे म्हण्णुं सांगना. मनांतु भूतकाळा पासून आशा, आकांक्षा, कामना, आसक्ति, संस्कारांक लागून संकलित जालिलो विचार विसर्जन करनुं शुद्धस्वरूप आनि स्वतंत्र जालिलो मन, बुद्धीन परमात्मान दिलिलो संदेश अंतिम लक्ष्य म्हण्णुं न्हंय तर एक माध्यम म्हण्णुं चिंतन, मनन, ध्यान, धारणा करनुं परपात्मालो परब्रह्म भाव अवतरचाक अवकाश दिवका. लक्ष्य परपात्मालो परब्रह्म भाव आशिल्यान तो भाव प्राप्त जलें किं माध्यम सोडनुं दीवका. रमन महर्षी म्हणताले किं साधन, माध्यम चिते वयलि अग्नि प्रज्वलित करचाक वापरचांतु येवचो लाकडा तरेन आसता. चिता पेटवून मृतालें शरीर भस्म जालें किं ती लाकडी कोणिंयी घर घेवनुं येनांचि, थंयीचि ते चिते वयर सोडताचि. नदी पार कराचाक दोणी प्रभावी माध्यम जालिल्यान नदी पार केले नंतर कोणिंयी ती दोणि माथ्यावयर कवटाळनुं घेवनुं येनांचि.

सर्व साधारण मनुष्य समजता किं परमात्मा अदृश्य आसा. ही एक व्होड चूक आसा. परमात्मा अदृश्य आसा म्हणचें हें प्रकाश अदृश्य आसा म्हणचें तरेन आसतालें. परमात्मा आसा म्हण्णुं सर्व स्रिश्टि आसा, स्रिश्टींतले सर्व जीव, वस्तु–पदार्थ. परमात्मा आसा म्हण्णुं प्रकाश आसा, प्रकाश आसा म्हण्णुं स्रिश्टींतले सर्व जीव, वस्तु–पदार्थ दृश्य जाताचि. मन नियंत्रणेंतु हाडिले योगीक ब्रह्मज्ञानाचो अविश्कार जालिल्यान ब्रह्मानंदाचो अद्वितीय परमानंद आत्मसात् अनुभवचांतु येता. तागेलि द्रिश्टी स्रिश्टींतु सर्व व्यापक, सर्व समभाव जावनुं तो स्वत:चे अस्तित्व स्रिश्टींतले सर्व जीव, वस्तु–पदार्थांतु आनि स्रिश्टींतले सर्व जीव, वस्तु–पदार्थ स्वत:चे अस्तित्वांतु अनुभवता. ध्यानांतु दवरका सीमित आकारांतु द्रिश्टी सीमित आसता. असीम निराकारांतु द्रिश्टी असीम, व्यापक आसता. जें प्राक्रितक दोळ्यान पोळोवचांतु येता तें सीमित आसता, जें अध्यात्मिक दोळ्यांक दिसता तें असीम, व्यापक आसता. जो भितर बसून खिडकींतल्यान आकाश पळयता ताका आकाश सीमित दिसता, जो घरांतल्यान भायर येवनुं आकाश पळयता ताका आकाश असीम दिसता.

सामान्य मनुष्याक परमात्मा अदृश्य आनि अज्ञात आसता. केवल योगीक अंतरमनांतलि चेतना जागि जालिल्यान चिंतन, मनन, ध्यान, धारणा करता जाका लागून जे तरेन झाडा वयर पिकिलें पान सहज, सरळ, सुरलीत गळनुं पडता ते तरेन मनांतले अशुद्ध, अपवित्र, राजसिक आनि तामसिक गुणांचे विचार विसर्जन जावनुं नवे शुद्ध, पवित्र, सात्विक विचार मनांतु नवे अंकुर पावचाक, चिगुरचाक प्रारंभ जाता. अंत:करणांतु परमात्मालो अनाहत नाद चैतन्य, सुगंध, अविस्मरणीय संगीत दुमदुमत सर्व जीवानांतु पसरनुं, सर्व द्रिश्टिकोण बदलायुअता. परमात्माक स्रिश्टींतले सर्व जीव, वस्तु–पदार्थांतु आनि स्रिश्टींतले सर्व जीव, वस्तु–पदार्थांतु परमात्मांतु पळयता ते योगीक परमात्मा अदृष्य ना, अज्ञात ना. देकून योगी परमात्मा पासून दूर ना किंवा परमात्मा योगी पासून दूर ना. योगी परमात्मालोचि प्रतिबिंब जालिल्यान जे विचार परमात्मा करता तेचि विचार योगी कडचान परमात्माले इच्छानुसार, प्रत्यक्षांतु विचार करचांतु, उलोवचांतु, अचरणेंतु येवनुं कार्यान्वित जाताचि. जे तरेन एक फ़ातर उदकांतु पडलो किं अनेक वर्तुळं पसरताचि, ते तरेन परमात्मालि इच्छा संसारांतु प्रत्येक भक्त अनेक ल्हान व्होड वर्तुळं जावनुं ते विराट अस्तित्वाचे स्पंदनाक लागून गोल गोल पसरताचि. पुण तेन्नां कोण, खंय, केन्ना आनि

खंयचो तरेन गुण स्वभावाक लागून  प्रवृत्त आनि प्रभावित जालिलो आसता हे समजचांतु येना. पुण तो योगी सर्वत्र समभाव दवरनुं सुख–दुःख पळयत सर्वांतु श्रेष्ठ म्हण्णुं मानचांतु येता.

कृष्ण अर्जुनाक सांगता किं ताणें परमात्माले बरोबर आत्मभावनेन संयोजित जालिलो योगी जावका. कारण परमात्मा बरोबर पूर्ण संलग्न जालिलो मनुष्य निःसंशय ज्ञानी पेक्षां श्रेष्ठ, वेदज्ञान आशिल्लो जनांपेक्षा श्रेष्ठ, कर्मकौशल्य आशिल्लो साधकालो पेक्षां श्रेष्ठ जावनुं आसा – ''तपस्विभ्योऽधिको योगी ज्ञानिभ्योऽपि मतोऽधिकः । कर्मिभ्यश्चाधिको योगी तस्माद्योगी भवार्जुन ॥ योगीनामपि सर्वेषां मद्गतेनांतरात्मना । श्रद्धावान्भजते यो मां स मे यौक्ततमो मतः ॥''. हें कृष्णाले निश्चित मत जावनुं आसा.

परमात्मा निराकार शक्तिस्वरूप आशिल्यान जनसामान्यांक तो दीसना, अनुभवचाक एक विलक्षण द्रिश्टि आसचाक जाय. सामन्य मनुष्यांक परमात्मालो अस्तित्व स्रिश्टींतु व्याकृत जालिलें रूप–आकार, वतु–पदार्थ,  ते सर्वांतु जावचों परिवर्तन, रूपांतरितल्यान जाणता – ''अकृत्स्नो हि सः, प्राणन्नेव प्राणो भवति, वदन् वाक्, पश्यंश्चक्षुः, श्रुण्वन् श्रोत्रम्,मनवानो मनः; तान्यस्यैतानि कर्मनामान्येव । ... तदेतत्पदनीयस्यसर्वस्य् यदयमात्मा, अनेन ह्येत्सर्वं वेद ।''.

ooooo



# *अध्याय सातवो*
# *ज्ञान विज्ञान योग*

आतां पर्यंत एक मित्र, सखा, हितचिंतक म्हण्णुं जितलें कृष्णाक भौतिक पातळि वयर अर्जुनाक समजावचें शक्य आशिल्लें तितलें समजायलें. पुण जें सांगलें तें आयकून अर्जुनाक समाधान जालिलो नाशिल्यान आतां कृष्ण अध्यात्मिक पातळीवयर – ''मय्यासक्तमनाः पार्थ योगं युंजन्मदाश्रयः । असंशयं समग्रं मां यथा ज्ञाप्यसि तच्छृणु ॥'' म्हण्णुं विस्तारान समजायत आसा. कारण परमात्माले अव्याकृत अस्तित्व जें स्रिश्टींतु स्थूल रूप–आकारान व्याकृत जावनुं सहस्रान् सहस्र शतमान बदलत, रूपांतरित, परिवर्तन जायत आसता तें जन सामान्यांक इंद्रियांचे मुखांतर उपलब्ध आसता, पुण परमात्माले अव्याकृत अस्तित्व जें स्रिश्टींतु सूक्ष्म रूपान व्याकृत जावनुं बदलत, रूपांतरित, परिवर्तन जायत नासताना काळांतरन परत परमात्माले व्यापक, विशाल आनि विराट अव्याकृत अस्तित्वांतु समावेश जाता तें नाम–तत्व केवल संवेदनशील तीक्ष्ण बुद्धीचे जनांक इंद्रियांचे पेलतडेन गेलिल्यान उपलब्ध आसता.

पुरातन काळांतले प्रथमावस्थेंतु जेन्नां आदि मानवाक आपण्याले सर्व दिशेन पसरिलि प्रकृतीचें अस्तित्व जशें जशें जाणवलें तशें तशें ते विषय जाणचें तागेलें कुतूहल वाढत गेलिल्यान ते अज्ञात अध्यात्मिक अस्यित्वाचो शोध घेत विचारचाक लागलो : कोण हें जाणता, कोण हें सांगू शकता ? खंयचान हें अस्तित्वांतु आयलें ? केन्नां हि स्रीश्टी निर्माण जालि ? देव सुद्धां हें जाण नांचि कारण ते स्रिश्टि निर्मिती नंतर जन्माक आयले ! जे कोणे हें पयलें निर्माण केलें कदाचित् तो प्रजापति सांगू शकतालो किंवा तोबी सांगू शकचो ना – ''को अद्धा वेद क इह प्र वोचत, कुत आजात कुत इयं विसृष्टिः । अर्वाग् देवा अस्य विसर्जनेनाऽधा को वेद यत् अबभूव ॥''.

विश्वाचे विकासाचे गतीक एक प्रगतीचें स्वरूप प्राप्त जावनुं स्रिश्टींतु इंद्रियान प्रभावित जायत उरचो जीव आतां साधारण मानव उरलो ना तर इंद्रियांचे पेलतडेन वचून असामान्य शक्तीक लागून अशक्य असले विश्वांतु प्रवेश करनुं कल्पनेचे पेलतडेन असले एक अनंत साम्राज्याचि सीमा पार करत गेलो. आनि अखेरीक जें तो शोधत आशिल्लो तें अस्तित्व भायर न्हंय तर भितर दर एक मनुष्याले अंतःकरणांतु उपस्थित आसता – ''हरिः ओं अथ यदिदमस्मिन् ब्रह्मपुरे दहरं पुंडरीकं वेश्म दहरोस्मिन् अंतराकाशः तस्मिन्यदंतन्वेष्टव्यं तद्वाव विजिज्ञासितव्यं ॥'' म्हण्णुं प्रभावित जालिलो एक असामान्य ऋशी प्रजापती परमेष्ठीन सांगलें किं पयलें भायर–भितर आशें कांयि नाशिल्ले, जें काय आशिल्लें तें केवल निराकार रूपान आपण्याले शक्तिसयत आशिल्लें, ताजे व्यतिरिक्त दुसरें कांयी नाशिल्लें – ''नासद् आसीन्नो सद् आसीत् तदानीं नासीद् रजो नो व्योमा परो यत् । ... आनीद् अवातं स्वधया तद् एकम् । तस्माद्धान्यन् न परः कीं चनास ॥''. तेचि निराकार अस्तित्व सर्व भूतजातीवयर अधिपति जालें – ''हिरण्यगर्भः समवर्तताग्रे भूतस्य पतिरेक आसीत् । स दाधार पृथिवीं द्याम् उतेमां कस्मै देवाय हविषा विधेम ॥''. मागिर अव्याकृत अस्तित्वाचे व्याकृत जालिलें अस्तित्व – ''सहस्रशीर्षा पुरुषः सहस्राक्षः सहस्रपात् । स भूमीं विश्वतो वृत्वाऽत्यतिष्ठद्दशांगुलम् ॥ पुरुष एवेदं सर्वं यद्भूतं यच्च भव्यम् ।

उतामृतत्वास्येशानो यद् अन्नेनातिराहति ॥'' म्हण्णुं साकार रूपान अभिव्यक्त जावनुं सर्व दिशा पसरनुं व्यापून उरलें.

काळांतरान अव्याकृत निराकार रूपान पसरिलो निराकार पुरुषाक हवि रूपान एक विश्वयज्ञांतु अर्घ्य दीवनुं कल्पनेन स्रिश्टींतले अनेकानेक साकार रूप–आकारांक विस्तारित करचांतु आयलें – ''यत् पुरुषेण हविषा देवा यज्ञमतन्वत ।''. ते यज्ञांतल्यान अन्न, पशु, पक्षि, वेदांतले ऋक् निर्माण जाले, चंद्र सूर्य, नक्षत्रं, मन, बुद्धि, प्राण आनि आकाश अवकाश निर्माण जाले, सनातन धर्म यम–नियमांचि प्रतिष्ठा जालि. सर्व संसाराक अज्ञात आशिल्ले ज्ञात जावचाक निराकार आशिल्ले साकार रूपांतु परिवर्तन जालें – ''रूपं रूपं प्रतिरूपो बभूव तदस्य रूपं प्रतिचक्षणाय ॥''.

जे तरेन जें ज्ञान विज्ञान सुरवातीक 'अव्ययोगाचें' रूपान केवल परमात्माले लागीं सर्वां पासून अज्ञात आशिल्लें तें सर्वांक ज्ञात जावचाक परमात्मान तें पयलें प्रथम सूर्याक प्राप्त करनुं दिलें. सूर्यान तें मनूक, मनून अन्य राजर्षींक हस्तांतर करताना तें काळ समयाक लागून भ्रश्ट, दुर्मेध जालें. देकून तो अव्यय योग स्रिश्टींतले अनेक दैवी पुरुष, ऋशि–मुनि, मनु आनि मानवांक माध्यम करनुं परत संसाराक उपलब्ध करनुं दिवचांतु आयलो. द्वापर युगांतु कळिकाळाचि सावळी जनांले मना वयर पडिल्ल्यन् तो 'अव्यय योग' दुर्मेध जालिल्यान कृष्ण तो आतां विस्तारान परत निरूपण करत आसा.

परब्रह्म परमात्मा जो अव्याकृत अस्तित्व रूपान आसता तोचि स्रिश्टींतु नाम–रूपान व्याकृत जावनुं आशिल्यान अव्याकृत परमात्मांतु आनि व्याकृत जालिले प्रत्येक आकारांतु, आकारांतु सूक्ष्म रूपान आशिल्लें नाम–तत्वांतु मूळभूत असलो फ़रक आसचें अपेक्षित ना. किंबहुना उपनिषदांतु नमूद केलिलें आसा किं – ''अकृत्स्नो हि सः, प्राणन्नेव प्राणो भवति, वदन् वाक्, पश्यंचक्षुः, शृण्वन् श्रोत्रं, मन्वनो मनः, तान्यसयैतानि कर्मनान्येव । स योऽत एकैकमुपासते न स वेद, अकृत्स्नोऽह्येत एकैकेन भवतिः आत्मेत्येवोपासीत, अत्र ह्येते सर्वं एकं भवति । तदेत्पदमनीयमस्य सर्वस्य यदयात्मा, अनेन ह्येतत्सर्वं वेद ।''. देकून जे तरेन गायीले पादचिन्ह गायीलो षोध घेअन्चाक वापरताचि ते तरेन कृष्णान जर अव्ययोगाचें निरूपण करताना अर्जुनाक स्रिश्टींतु भौतिक पातळीवयर ज्ञात आशिल्ले स्थूल रूप–आकार उदाहरण, स्पश्टीकरण म्हण्णुं वापरनुं अध्यात्मिक पातळीवयर अज्ञात आशिल्लें परमात्मालें नाम–तत्वाचें स्पश्टीकरन केलें तर तें योग्यचि आसा. कारण परमात्मालि जी उर्जा, शक्ति तागेलें अव्याकृत अस्तित्वांतु नित्य जागृत आनि तेजोमय, असीम आनि व्यापक आसता तीचि व्याकृत जालिले नाम–रूपांतु अंशरूपान इंद्रियांचे प्रभावाक लागून तेजहीन, सीमित आनि संकुचित, सुप्तावस्थेंतु आसता. देकून मनुष्याले अंतःकरणांतु परमात्मालि उर्जा, शक्ति परत प्रस्थापित अकरचि आवश्यजता ना; जें आवश्यक आसता तें इंद्रियांचे प्रभावाक लागून तेजहीन, सीमित आनि संकुचित, सुप्तावस्थेंतु आशिल्ले परमात्मालि उर्जा, शक्ती वयर आशिल्लें अज्ञानाचे आवरण दूर करचें आसता. कृष्णान हे विशय नंतर स्फश्टीकरण खंय खंय महान्, श्रीमंत, आनि सामर्थ्यवान् जन–जनांवर किंवा वस्तु–पदार्थ दिसताचि ते सर्वांतु अज्ञान विसर्जन जालिल्याना तागेलें अंशरूपान आशिल्ले नामतत्व सृजन जालिलें अनुभवचांतु येतालें ''यद्यद्विभूतिनत्सत्त्वं श्रीनदूर्जितनेव वा । तत्तदेवावगच्छ त्वं मम तेजोऽंशसंभवम् ॥'' म्हण्णुं सांगून दिलिलें आसता.

अर्जुनाक भौतिक पातळीवयले ज्ञानान भ्रमाचें निरसन पूर्ण जालिले नाशिल्यान कृष्ण आतं ते ज्ञानाक जोडनुं विज्ञान, अध्यात्मचें विशेष ज्ञान दीत आसा – ''ज्ञानं तेऽहं सविज्ञानमिदं वक्ष्या.म्यशेषतः । यज्ञात्वा नेह भूयोऽन्यज्ञातव्यमवशिश्यते ॥''. मुंडक उपनिशदांतु ज्ञान आनि विज्ञान हे विद्येचे दोन प्रकार आसताचि – ''द्वे विद्ये वेदितव्ये इति ह स्म यद् ब्रह्मविदो वदंति – परा चैव अपरा च ॥ म्हण्णुं संगून इंद्रियांचे माध्यमांतल्यान ज्ञात जावचें ज्ञान आनि इंद्रियांचे पेलतडेन अज्ञात आसचें पुण एक क्षणांतु वीज झळकले तरेन अनुभवनुं आत्मसात जावचे विज्ञानाचें विश्लेषण केलिलें आसा.

जाणचाक जाय किं अश्वत्थाचें वैभव विराट फ़ांद्यांतु आनि विस्तारान पसरिलें पानांतु आसना तर जमीनेंतु सकयल अदृश्य रूपान आशिल्ले पाळा–मूळांतु आसता. पुण ताजें विपरीत संसारांतु इंद्रियांचे प्रभावाक लागून दोळ्या वयर मायेचें पांघरूण आशिल्यान जन सामान्य अश्वत्थाचें वैभव विराट फ़ांद्यांतु आनि विस्तारान पसरिलें पानांतु पळयताचि. देकून परमात्माक अश्वताचे वृक्षा बरोबर तुलना करनुं सांगचांतुअ येता जें तरेन अश्वथा वृक्ष संसारांतु भौतिक पातळी वयर दिसता ताजें विपरीत अध्यात्मिक अश्वत्थाचिं पाळं ऊंच आकाश, अवकाशांतु अदृष्य आसून ते वृक्षाचिं फ़ांदे आनि पानं मात्र जन सामान्यांक दिसताचि.

जें प्रतिबिंबरूपान दृश्य, ज्ञात आसता तेंचि बिंबरूपान अदृश्य, अज्ञात आसता. जें बिंबरूपान सत्य आसता तें प्रतिबिंबरूपान भ्रम, माया, असत्य आसता. आकाश, अवकाचे पेलतडेन आशिल्लो सविता सूर्य नारायण अदृश्य, अज्ञात, सत्य आसता. देकून ऋशि विश्वामित्रांनि पळयिलो सविता सूर्य नारायण प्राप्त जावचाक साधक आकाशांतु तेजःपुंज स्थूल गोलाकारांतु दिसचे सूर्याक माध्यम करनुं गायत्रि मंत्राचे पठण, जप करताचि. देकून जें तरेन आकाशांतु दिसचो सूर्य सविता सूर्य नारायण न्हंय ते तरेन व्याकृत जालिलि स्रिश्टि अव्याकृत परमात्मा न्हंय. पुण जें तरेन आकाशांतु दिसचो सूर्याक माध्यम करनुं आकाश, अवकाचे पेलतडेन आशिल्लो सविता सूर्य नारायण आत्मसात् करचे साध्य जाता.

परमात्मालो शोध मनुष्याले अंतरात्मांतूचि घेवचो आसता म्हण्णुं शास्त्रांतु सांगिल्लें आसल्यारियी अध्यात्माचो प्रवास सरळ, सुलभ ना, तर कठीण आनि त्रासदायक आसता. कठोपनिषदांतु सांगल्यां – ''क्षूरस्य धारा निशिता दुरत्यया दुर्गंपथस्तत्कवयो वदंति ॥''. कारण अंतःकरणाचें द्वार उघड आसल्यारियी भौतिक पातळीवयले विषयांचे आकर्षण०अका लागून मनुष्यालि द्रिश्टि परमात्माले दिशेन ना. सहस्रांतले एक मनुष्यालि द्रिश्ती परमात्माले दिशेन प्रयत्नान आसता, प्रयत्न करतल्यांतु एक मनुष्य परमात्मालें दर्शन घेवनुं ताका जाणता – ''मनुष्याणां सहस्रेषु कश्चिद्यतति सिद्धये । यततामपि सिद्धानां कश्चिन्मां वेत्ति तत्वतः ॥''.

जर परमात्माले नाम–तत्वाचो शोध घेवचो आसल्यार जें तरेन गायीलो शोध गायिले पादचिन्हा वयल्यान घेवचांतु येता ते तरेन परमात्माले सूक्ष्म नाम तत्वाचें विज्ञान व्याकृत जालिले स्थूल रूप–आकारा वयल्यान प्राप्त करनुं घेवचाक जाय. कारण जें प्रकट आसता तें सर्वांक दिसता, जें अप्रकट आसता ते केवल ज्ञान–विज्ञानान परिपूर्ण आशिल्ले मनुष्याक मात्र दिसता. देकून कृष्ण पयलें प्रकट जालिले स्थूल वस्तु पदार्थांचे उल्लेख करनुं नंतर अप्रकट आशिल्ले सूक्ष्म – ''एतद्योतिनि भूतानि सर्वाणीत्युपधारय । अहं कृत्स्नस्य जगतः प्रभवः प्रलस्तथा ॥'' म्हण्णु सर्व व्यापी परमात्मालें – सृश्टि कर्ता, संरक्षक आनि विनाशक सुद्धां आसता म्हण्णुं व्यापक कर्तुत्व आनि कार्य विस्तारान सांगता.

कृष्ण सांगता किं अव्याकृत परमात्माचि प्रकृतींतु पृथ्वी, जल, अग्नि, वायु, आकाश, मन, बुद्दी आनि अहंकार हे तरेन स्थूल रूपा–आकारान आनि सूक्ष्म नाम–तत्व रूपान ते स्थूल रूपा–आकारांतु प्रस्थापित जावनुं व्याकृत जालिलि स्रिश्टि धारण करता – ''भूमिरापोऽनलो वायुः खं मनो बुद्दिरेव च । अहंकार इतीयं मे भिन्ना प्रकृतिरष्टधा ॥ अपरेयमितस्त्वन्यां प्रकृतीं विद्धि मे परम् । जीवभूतां महाबाहो ययेदं धार्यते जगत् ॥''.

किंबहुना स्रिश्टींतु परमात्माले शिवाय विंगड कांयि नाशिल्यान परमात्मालो साक्षात्कार अध्यात्मिक पातळीवल्यान – ''मत्त परतरं नान्यत् किंचिदस्ति धनंजय । मयि सर्वमिदं प्रोतं सूत्रे मणिगणा इव ॥'' म्हण्णुं मान्य करनुं स्रीश्टींतु निर्माण जालिले समस्त वस्तु, पदार्थांतु, सूर्य, चंद्र, नक्षत्रांतु, प्रकाश रूपान, आकाश–अवकाशांतु, अनाहत–आहतांतु, नादब्रह्म–ओंकाररंतु, सत्व रूपान धरतींतु, पर्वतांतु, पात्थरांतु, नदींतु, गंध रूपान झाडांतु, फ़लांतु, फ़ुलांतु, चैतन्य रूपान जीव–जनांवरंतु, तेजाचे रूपान अग्नींतु, तपाचे रूपान तपस्वींतु, बुद्धि रूपान ज्ञानींतु, तेज रूपान तेजस्वींतु, बल रूपान शूरांतु, पौरुष रूपान मनुष्यांतु, अप्रकट चैतन्य रूपान समस्त भूतजातींतु अप्रकट रूपान परमात्माले परमोच्च अध्यात्मिक सूक्ष्म तत्व त्रिगुण आनि इंद्रियांचे पेलतडेन आशिल्ले ज्ञानी मनुष्य अनुभवताचि, जें अनुभवाक लागून वेगळें कांयियी अनुभवचें, जाणचें आवश्यक ना. देकून

कृष्णान ''ययेदं धार्यते जगत् ॥'' म्हणताना द्रिश्टिक पडचो स्थूल रूप–आकार पेक्षां ते रूप–आकारांतु आशिल्लो नामतत्वाक जास्त महत्व दिता हें ध्यानांतु दवरचें आवश्यक आसता. ''यह जो रोहिणीका जल । उसका देखनेसे मूल । रवि–रश्मि न हो केवल । है वह भानु ॥ इसी भांति सुन किरीटी । परा प्रकृतीसे जो सृश्टि । उस पार जाय तो दृश्टि । वहां हूं मै ॥ ऐसा हूं मैं सबका आधार । मुझमें सृश्टि स्थिति संहार । जैसा मणियोंमें होता दोर । आधार रूप ॥'' (ज्ञानेश्वर).

परमात्मालें सूक्ष्म नामतत्वाचे निरूपण करताना कृष्ण ''धर्माविरुद्धो भूतेषु कामोऽस्मि भारत'' म्हणता हें महत्वाचें आसा. काम, कामना जे तरेन जीव जंतूंक, जन जनावरंक जन्म दिवचाक कारणीभूत आसताचि ते तरेन स्रिश्टि निर्मितीक ते तरेन कारणरूप आसता ते तरेन स्रिश्टि आनि स्रिश्तींतलो प्रत्येक घटकांक सृजन करचाक आनि प्रत्येक घटनेक कारणरूप जावनुं आसता. स्रिश्टींतु काम, कामना आसले शीवाय कांयी निर्माण किंवा सृजन जावचें ना. उपनिषदांतु ''सोऽकामयत द्विविधो म आत्मा जायेतेति'', ''सोऽकामयत भूयसा यज्ञेन भूयो यजेयेति'', ''सोऽकामयत मेध्यं म इदं स्यत्'' म्हण्णुं सांगून काम, कामना धर्माक अनुकूल आसल्यार ती मनुष्याक श्रेयस्कर आसता.

सर्व साधारण मनुष्य आपण्यालो उत्साह, शक्ति, सामर्थ्य आनि समय वापरनुं संसारांतले तापत्रयांतल्यान सुटचाक परमात्मालि पार्थीव प्रतिमेचि पूजा–पाठ, अर्चना–याचना करता शिवाय आपण्यालो उत्साह, शक्ति, सामर्थ्य आनि समय इंद्रियां वयर संयम दवरनुं वेदोपनिषद, शिक्षादि षडांग उपशास्त्र, इतिहास, पुराणादि शास्त्रांचे अध्ययन, निरीक्षण, परिक्षण, चिंतन, मनन, निदिध्यासान करनुं शुद्ध आनि पवित्र जालिलो मनान परमात्माले सायुज्य साधचाक समर्पित जावचाक प्रयत्न करना.

शास्त्र सांगता किं काम, कामना, वासना मनुष्यालो सहज स्वभाव आसता. पुण जे तरेन काम, कामना, वासना धर्माचे यम–नियमानुसार सृजन जाल्यार अध्यात्मिक विकासांतु उपयोजक जाताचि तेचि तरेन काम, कामना, विषय वासनेन इंद्रियांचे सुखा खातिर उपयोजनेंतु हाडल्यार मनुष्याले अध्यात्माचे प्रवासांतु तागेलें ज्ञान–विज्ञान विसर्जन जावनुं ते आत्मघात आनि पतनाक कारण जाताचि. उपनिषद सांगता किं शास्त्र संमत ज्ञानाचे प्रभावान देव जाताचि; इंद्रियां आनि विषय वासनेन असुर जाताचि. प्रत्येक मंदिरांतले प्रवेश द्वारा लागीं दवरिलें कासवाचि प्रतिमा हेंचि निदर्शन करता किं परमात्माक भेटचाक आयिले मनुष्यान जे तरेन्न कासव संकट दिसलें किं आपण्याले पाय भितर ओडनुं घेता ते तरेन मनुष्यान मंदिरांतु प्रवेश करचें पयलें आपणाले इंद्रियां आनि विषय वासनेवयर संयम दवरचें अपेक्षित आसता. देव आनि असुर दोग्गंयी मनुष्याले मनांतु संघर्ष करत आसताचि. मनुष्यान आपण्यालि विवेक बुद्धीचो वापर करनुं जें प्रेय आसत ते सोडनुं जें श्रेय आसा तें स्वीकारचाक जाय.

किंबहुना दर एक जीव जे प्रकृतिजन्य गुण आनि स्वभावाक लागून प्राभावित आसताचि ते सर्व परमात्माले पासून अभिव्यक्ता जालिले आसताचि शिवाय तो तांगेलो पासून प्रभावित आसना. जेन्नां तो ''ये चैव सात्विका भावा राजसास्तामसाश्च ये । मत्त एवेति तान् विद्धि न त्वहं तेषु ते मयि ॥'' म्हणता तेन्नां समजचाक जाय किं त्रिगुणांचो जन्मादाता तो आसल्यारियी त्रिगुणांन प्रभावित जाय नासताना तांचे पेलतडेन तो आसता. जे तरेन व्होड वर्तुळांतु ल्हान वर्तुळं आसू शकताचि पुण ल्हान वर्तुळांतु व्होड वर्तुळ आसू शकनांचि, किंवा क्षुद्र विराटांतु आसू शकता पुण विराट क्षुद्रांतु आसू शकना, सागरांतु तरंग आसूं शकताचि, तरंगांतु सागर न्हंय, सागर तरंगा शिवाय असूं शकता, तरंगं सागरा शिवाय आसू शकना, ते तरेन परमात्मा गुणांक निर्मण करू शकता पुण गुणांक लागून प्रभावित जावू शकना.

परमात्मा सर्व स्रिश्टीचो जन्मदाता आशिल्यान केवल साधू जनांलो मात्र न्हंय तर असाधू जनांलो सुद्धां जन्मदाता आसा. परमात्मान स्रिश्टि निर्माण करचे खातिर पयलें प्रथम मन, वाक् आनि प्राण – ''त्रिण्यात्मनेऽकुरुत इति मनो वाचं प्राणम् ॥'' शुद्ध स्वरूप आसाल्यारियी जेन्नां ते मनुष्यांनि साधन रूपान वापरले

तेन्नां इंद्रियांचे प्रभावाक लागून अशुद्ध आनि अपवित्र जालें. सर्वांले मन गुण स्वभावान प्रभावित जालिल्यान तांगेलो संसार तांगेले मनांतले विचारांक लागून निर्माण जालिलो आसता. मैत्रि उपनिषद मनाचें वर्णन – ''मनो हि द्विविधं प्रोक्तं शुद्धं च अशुद्धं एव च । आशुद्धं कामसंपर्कात् शुद्धं कामविवर्जितम् ॥.. चित्तस्य हि प्रसादेन हंति कर्म शुभाशुभं । प्रसन्नात्मानि स्थित्वा सुखं अव्ययं अश्नुते ॥'' म्हण्णुं करता.

कृष्ण परमात्माले भूमिकेवयल्यान उलयताशिल्यान तागेलें वचन समग्र, समाहित द्रिश्टीन स्वीकारत नासताना विभाजन करनुं, वांटून, एक स्वीकारनुं आनि दुसरें अस्वीकारचें हें ज्ञान–विज्ञानाचो अनादर जातालो. देकून ज्ञानी मनुष्य फ़ूल फ़ुलता तेन्नां कांट्यांचोबी आदर करता कारण जरी परमात्मा सत्व, रज, तम गुणांचे पेलतडेन आशिल्यान त्रिगुणांअन प्रभावित आसना तरियी निर्माण जालिले सर्व चेता अचेतन घटक वेग–वेगळे तरेन आनि प्रमाणान प्रभावित जायत आसताचि, जाका लागून परमात्मालि माया, अविनाशी परातत्व जाणचें कठीण जाता – ''त्रिगुणमयैर्भावैरेभिः सर्वमिदं जगत् । मोहितं नाभिजानाति मामेभ्यः परमव्ययम् ॥''. कारण परमात्मालि माया शक्तीन क्षुद्र, अधम, असुर वृत्तीचे मूढ जनांले मना वयर पांघरूण घालिल्यान जे माया पार करताचि केवल ते परमात्माक प्राप्त करताचि – ''दैवी ह्येषा गुणमयि मम माया दुरत्यया । मामेव प्रपद्यंते मायामेतां तरंति ते ॥''.

परमात्मा जीवात्मा पासून दूर ना तर तागेलें श्वासा पेक्षा जास्त लागीं आशिल्यान दैवी माया सर्वांक समसमान प्रभावित करत आसून मनुष्य सात्विक, राजसिक, तामसिक गुणांचो आसा म्हण्णुं भेद करना. जो भेद मनुष्य पळयता तें तागेलें अज्ञानाक लागून निर्माण जालिलें आसून तो अध्यात्म ज्ञान–विज्ञान कमिं करचाक अवकाश दिता. इंद्रियासक्त जावनुं आपण्यान करचें कर्मचि योग्य आनि अन्य जनांनि करचें कर्म अयोग्य म्हणुं समजून अज्ञानाचे भ्रमांतु वावुरत स्वतः कृतार्थ म्हण्णुं समजताचि म्हण्णुं मुंडक उपनिषद तांगेलो उल्लेख करता – ''इष्टापूर्तं मन्यमाना वरिष्ठं नान्यच्छ्रेयो वेदयंते प्रमूढाः । ... अविद्यायां बहुधा वर्तमाना वयं कृतार्थ इत्यभिमन्यंति बालाः ।''. मनुष्य आपण्याले गुण स्वभावाक लागून परभावित जायत आशिल्यान तांगेले गुण स्वभावाक लागून असुर वृत्तीचे जनांले विचार आनि आचार अंधःकाराचे अज्ञानाचे आवरणान झांकिल्ले आसताचि – ''असूर्या नाम ते लोकाः अंधेन तमसावृताः ।''. असले तामसिक जनांक मायेचे प्रभावांतल्यान भायर पडचें कठीण आसता. देकून कृष्ण म्हणता – ''न मां दुश्कृतिनो मूढाः प्रपद्यंते नराधमाः । माययापहृतज्ञाना आसुरं भावमाश्रिताः ॥''.

कृष्णाले मतान मूढ मनुष्यांक भितर अंतरंगांतु आशिल्लो परमात्मा दीसना. जेन्नां कृष्ण मूढ म्हण्णुं संबोधन करता तेन्नां मूड म्हळयार मूर्ख म्हण्णुं न्हंय. मूर्ख मनुष्य अज्ञान आनि आपण्याले प्रकृति जन्य गुण स्वभावाक लागून श्रेय खंय आसा तें जाणना, इंद्रियासक्त जावनुं प्रेय स्वीकारनुं स्वतःचे अंतःकरणांतु आशिल्ले परमात्माक ओळखना. मूढ मनुष्य तो आसता जो अहंकाराक लागून आपूण ज्ञानी आनि सर्व अन्य जन अज्ञानी म्हण्णुं समजत आसता. वस्तु पदार्थान मेळचे सुखा खातिर मूर्ख जन शरीर भायल्यान मात्र स्वच्छ दवरनुं मंदिरांतु वताचि. देवळांतले दिवलेंतलि ज्योत जळयताचि पुण आंतरमनांतलि ज्योत प्रज्वलित करनांचि. परमात्माक जागे करचाक देवळांतलि घंटा वाजयताचि, व्होड अवाजान भजन करतचि पुण सचेत जावनुं अंतःकरणांतु ओंकाराचो अनाहत अंतरनाद आयकनांचि. उदर भरण खातिर भोजन करताचि, पुण जें अन्न मेळता तें परमात्मालो प्रसाद म्हण्णुं सेवन करनांचि. देवाक वस्तु–पदार्थांचि, धन–धान्य, सत्ता–ऐश्वर्याचि याचना करताचि पुण जे वस्तु–पदार्थ, धन–धान्य, सत्ता–ऐश्वर्य आपण्याक कर्मानुसार प्राप्त जाल्यां ताजे खातिर परमात्माक कृतज्ञता, धन्यवाद, अभिवादन, आभार म्हण्णुं प्राथना करनांचि. इंद्रियांचे प्रभावाक आनि विषय वासनेक लागून परमात्माले विशय वैरवृत्तीन स्पर्धा करनुः स्वतःचो आत्मघात करनुं घेताचि.

मनुष्य आप–आपण्याले गुण–स्वभावा अनुरूप कर्म करत आशिल्यान जे तरेन सात्विक जनांक परमात्मालो सात्विक जनांक साक्षात्कार जावू शकता ते तरेन तामसिक जन मोह आनि भ्रमांतु आशिल्यान

परमात्मालें परम अव्यय अस्तित्व अभिप्रेत जावचें अपेक्षित ना. पुण माया शक्ति अद्भुत, अलौकिक, असाधारण आनि अत्यंत कठीण आसल्यारियी स्वधार्मानुसार मनुष्यान कर्म केल्यार ताजे फ़ल योग्य जावनुं माया शक्ति पार करचें शक्य आनि संभव आसता.

कृष्ण अर्जुनाक सांगता किं मनुष्य आप–आपण्याले गुण स्वभावाक लागून चार प्रकारान परमात्माक भजताचि – ''चतुर्विधा भजंते मां जनाः सुकृतिनोऽर्जुन । आर्तो जिज्ञासुरर्थार्थी ज्ञानी च भरतर्षभ ॥''. जो मनुष्य संसाराचे सुख–दुःखान तळमळत मायेचे बंधनांतल्यान सुटचाक निरंतर जप, तप, ध्यान करत परमात्माक भजता तो आर्त आसता. जो मनुष्य स्रिश्टी केन्नां आनि कशें निर्मिति जालि, कशीं अंत जातालो असले अनेक गूढ रहस्य, जाणचाक इच्छुक आनि उत्सुक आसता, तो जिज्ञासु आसता. जो मनुष्य धन–धान्य, सुख–संपत्ति–ऐश्वर्य मेळोवचाक परमात्माक भजता तो अर्थार्थी आसता. आनि जो मनुष्य परमात्मालें परतत्वाचें ज्ञान–विज्ञान मेळोवचाक धडपडता तो ज्ञानी आसता.

इंद्रियासक्त आनि विषय वासनेन प्रभावित जावनुं आर्त, अर्थाथी आनि जिज्ञासू जन क्षुद्र शक्तीवयर अधिपत्य करचे देवांक पूजा पाठ करनुं क्षणिक, क्षणभंगुर सुख समाधान प्राप्त करताचि. देकून तांक परमात्मालें अव्यय, अक्षय, शाश्वत परमसुख, परमानंद प्राप्त जावचें कठीण आसता. कारण संसारांतले दुःखान तळमळचो आर्त मनुष्य दुःख दूर जालें आनि सुख प्राप्त जालें कि कदाचित् परमात्माक विसरू शकता. स्रिश्टी आनि संसारांतले अनेक गूढ प्रश्न्यांचे रहस्य निरसन जालिलो जिज्ञासु कदाचित् परमात्माक विसरू शकता. भौतिक धन–धान्य, सुख–संपत्ति, संपदा–ऐश्वर्य प्राप्त जालें किं कदाचित् अर्थार्थी परमात्माक विसरू शकता. पुण ज्ञानी मनुष्य परमात्मालें परतत्वाचें ज्ञान–विज्ञान आत्मसात् करनुं परमात्मांतु नित्य, निरंतर एकरूप जावनुं आश्लिल्यान ताका परमात्माक विसरचें शक्य जावचें ना.

कृष्ण जाणता किं संसारांतु आर्त, जिज्ञासु, अर्थार्थी जन इच्छित आशा, कामना फ़ल प्राप्त जावचाक आनि आपण्याले अपयश, दुःख यश आनि सुखांतु परिवर्तन जावचाक आप–आपण्याले गुण स्वभावाक लागून वेग–वेगळे देव, शक्ति, धर्म, संप्रादाया वयर विश्वास दवरनुं पूजा–पाठ करचाक देवळाक वता, देवळांतले दिवलेंतु तूप घालनुं ज्योत जळयता, आरति करता, धूप जळोवनुं सुगंध सर्व दिशेन पसरायता, पाय पडता, नमस्कार करता, याचना करता. विश्वास डगमगल्यार तो देव, धर्म, संप्रादय सोडनुं विंगड देव, धर्म, संप्रादये स्वीकारचें सुलभ विकल्प शोधता. पुण परमात्माले विषय आश्लिल्लो अज्ञानाचो अंधःकार नाश कराचाक ज्ञान–विज्ञान प्राप्त करनुं घेवचाक अधीर, उत्सुकता तीक्ष्ण तळमळ ना. पुण जो मनुष्य शास्त्र संमत ज्ञान–विज्ञानान परमात्माले अद्वैत परम तत्व जाणता तो परमात्माक अनन्य भावनेन, एकाग्र चित्तान नित्य, निरंतर नामस्मरण, कीर्तन, भजन, ध्यान धारणा करनुं परमात्माले अद्वैत रूप, अविभक्त अस्तित्वांतु सभक्त जावनुं आपण्यालि प्रज्ञा परमात्मांतुप्रस्थापित करत तो परमात्माले परम पदाचें शाश्वत, अक्षय सान्निध्य प्राप्त करचाक सक्षम जावनुं अधिकार प्राप्त करता. देकून जरी आर्त, जिज्ञासु, अर्थार्थी साधकांले प्रति परमात्माक उदार भाव आसल्यारियी जो साधक ज्ञान–विज्ञानान परिपूर्ण जावनुं परमात्माक पूर्ण समर्पित आसता तो निश्चित रूपान परमात्मालो अत्यंत प्रिय आनि युक्तात्मा आसता – ''तेषां ज्ञानी नित्ययुक्त एकभक्तिविशिष्यते । प्रियो हो ज्ञानिनोऽत्यर्थस्य स च मम प्रियः ॥ उदाराः सर्व एवैते ज्ञानि त्वात्मैव मे मतम् । आस्थितः स हि युक्तात्म मामेवानुत्तमां गतीम् ॥''.

''होता है जो ज्ञानके प्रकाशसे । मुक्त सदा भेदाभेद तमसे । रहता मद्रूप–समरससे । तथा भक्त भि जो ॥.. ज्ञानी वैसे काया–कर्मसे । दीखता उपासक जैसे । आंतरिक अनुभाचसे । मद्रूप है जो ॥ ... किंतु जिसने मुझे जानकर । मुडकर देखा नहीं संसार । सरिता सागरको प्राप्त कर । न मुडती जैसे ॥ .. अजी ! जो ज्ञानी कहलाता है । वह तो मेरा चैतन्य ही है । यह बात कहनेकी नही है । कहता हूं तुझसे ॥'' (ज्ञानेश्वर).

किंबहुना परब्रह्म परमात्माले निराकार स्वरूपमैश्वर्य देवांक सुद्धां उपलब्ध ना म्हण्णुं स्वतः कृष्ण सांगता – ''सुदुर्दुशमिदं रूपं दृश्ट्वानसु यन्मम । देवा अप्राप्य रूपस्य नित्यं दर्शनकांक्षणः ॥''. देकून अनेक जन्म

जन्मांतरन अध्यात्माचो प्रवास करत स्रिश्टी आनि स्रीश्टींतु निर्माण जालिलॆ सर्व, समस्त वस्तु, पदार्थांतु, सूर्य, चंद्र, नक्षत्रांतु, प्रकाश रूपान, आकाश–अवकाशांतु, अनाहत–आहतांतु, नादब्रह्म–ओंकाररंतु, सत्व रूपान धरतींतु, पर्वतांतु, पात्थरांतु, नदींतु, गंध रूपान झाडांतु, फ़लांतु, फ़ुलांतु, चैतन्य रूपान जीव–जनांवरंतु, तेजाचॆ रूपान अग्नींतु, तपाचे रूपान तपस्वींतु, बुद्धि रूपान ज्ञानींतु, तेज रूपान तेजस्वींतु, बल रूपान शूरांतु, पौरुष रूपान मनुष्यांतु, अप्रकट चैतन्य रूपान समस्त भूतजातींतु अप्रकट रूपान वासुदेवचि ही सर्व स्रिश्टी आनि जीवात्मांक व्यापून आसचो परमात्मा म्हण्णुं माननुं थोडे भाग्यशाली ज्ञानी अनेक जन्म जन्मांतरान सौभाग्य प्राप्त करनुं आपण्यालें विभक्त जालिलॆ आत्मा परमात्मालॆ अविभक्त अस्तित्वांतु संमिलित करताचि, तॆ दुर्लभ आनि अपरूप आसताचि. वासुदेव म्हळयार जो सर्वांतु निवास करनुं आसता, तो – ''वासयति भूतानि स्वस्मिन् इति वासुः सचासौ देवश्च दीव्यते इति स्वप्रकाशः स वासुदेवः इत्यर्थः ॥''. युक्तात्मा तो आसता जो सर्व स्रीश्टींतु एकीभाव ऐक्य साधता.

''शत–जन्मोंका है प्रवास करता । फ़लाशाका जूता नही पहनता । फ़ल–हेतुका लेख कौन लिखता । ऐसी स्थितिमें ॥ .. फ़िर चमकी उषा गुरु–कृपाकी । खिल फ़ैली स्वर्ण–किरण ज्ञानकी । वहां प्रतीति हुई साम्य–सिद्धिकी । अंतर दृश्टिमें ॥ जिस ओर देखो तब मैं हूं । एकांत लोकांतमें मैं ही हूं । सदा सर्वत्र मैं एक ही हूं । मैं ही उसका ॥ उसके लिये सदा सर्वत्र कहीं । मैं छोडकर अन्य कुछ भी नहीं । तलावमें डूबी गगरीको कहीं । जैसे जल सर्वत्र ॥ होता है वह मेरे भितर । उसको मैं बाहर भितर । इसको शब्दोंमें गूंथकर । कहां नहीं जाता ॥'' (ज्ञानेश्वर).

पुण हें एक जन्मांतु शक्य ना. जो भक्त ज्ञान–विज्ञानान परिपूर्ण असता तो प्रिय आसा म्हण्णुं सांगिल्यान साधु जनांलॆ विशय मात्र तो प्रतिबद्ध आसता आनि असाधु जन अप्रिय किंवा तांगेलो तिरस्कार, द्वेश करता म्हण्णुं न्हंय. परमात्मालो उद्देश जे तरेन साधूंलो शुद्ध पवित्र गुण स्वभाव आनि कर्म जपून दवरचें आसता ते तरेन दुश्टांलॆ दुश्टपण सुद्धां निर्मूलन करनुं थंय पावित्र्य, शुद्ध संकल्प प्रस्थापित करचें आसता. देकून पूर्व काळापासून परमात्मान स्रिश्टींतलॆ एक वा दुसरें स्थूल वस्तु–पदार्थ, जीव–जनांरांक माध्यम म्हण्णुं उपयोजनेंतु हाडिलॆ तरेन द्वापर युगांतु कृष्ण आनि पांडवांक माध्यम म्हण्णुं उपयोजनेंतु हाडनुं स्रिश्टींतु दुश्ट प्रवृत्तीचे शिषुपाल, दुर्योधन आनि तागेलॆ भावां तसलॆ अनेक दुश्ट जनांक पयलें सल्लो, मार्गदर्शन, उपदेश दीवनुं तांगेलॆ अज्ञान दूर करनुं आनि थंय ज्ञानाचे बींय पेरचो प्रयत्न केलिलो. आनि जैन्नां तांगेलॆ शरीरांतु प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाक लागून तांगेलो दुश्ट, अपवित्र प्रवृत्ति विसर्जन जालिलॆ नाशिल्यान तांगेलॆ तामसिक/राजसिक मनोवृत्ति प्रवृत्त करचें शरीर नाश करनुं तांगेलो आत्मा मुक्त जालो.

सर्व सामान्य मनुष्य स्रिश्टींतलॆ जन–जनांवर, जीव–जंतु, पक्षि–पर्वत, सरिता–सागर, वन–वनस्पति एकमेकां पासून वेग–वेगळे द्वंद्व पळयाता, ते सर्वांतु आशिल्लें परमात्मालें अव्याकृत अस्तित्व मायेक लागून पळयना. देकून आपण्यालॆ गुण स्वभाव, अज्ञान आनि विषय वासनेख लागून परमात्मालॆ शक्तींक अंतिम लक्ष्या म्हण्णुं पूजा–पाठ करता – ''कामैस्तैर्हृतज्ञानाः प्रपद्यंतेऽन्यदेवताः । तं तं नियममास्थाय प्रकृत्या नियताःस्वयाअः ॥''. पुण परमात्मालें अव्याकृत, अद्वैत निराकार परमात्मालि पूजा–पाठ, ध्यान धारणा, करचें विसरता. स्रिश्टिच्चें संरक्षण आनि विनाश करचाक परमात्मान प्रत्येक देव–देवतेंक एक एक विशिश्ट कार्य सोंपयिलें आसता. कृष्ण सांगता किं लक्ष्य महत्वाचें, माध्यम गौण आसता. देव वेगळे कोणिंयी नासताना परमात्मालोचि एक दिव्यांश आसताचि. जो मनुष्य परमात्मालें मूळ अस्तित्व जाणना तो परमात्मालॆ अंशरूपान आशिल्लॆ देवांक सुद्धां समजचो ना म्हण्णुं वेदवचन आसा – ''इयं विसृश्टिर् यत् आबभूव यदि वा दधे यदि वा न । यो अस्याध्यक्षः परमे व्योमन् त्सो अंग वेद यदि वा न वेद ॥''.

संसारांतु अज्ञानाचे काळोखंतु वावुरत आपूण बुद्धिमान, ज्ञानी म्हण्णुं माननुं भौतिक पातळीवयर विषय वासनेक लागून इंद्रियांन प्राप्त जावचे सुखाखातीर परमात्मालॆ अंश रूपान व्याकृत जालिलॆ देवांलि पूजा–पाठ,

अर्चना–याचना करचे अल्प बुद्धीचे जन दिसचांतु येताचि.फ़ल भौतिक पातळीवयर प्राप्त करचें महत्वाचें न्हंय तर भौतिक पातळीचे मागशीं आशिल्लि परमात्मालें परम पद श्रद्धेन आत्मसात् करचें म्हत्वाचें आसता. खंयचेयी मार्ग, साधन वापरनुं खंयचेयी दैवी शक्तीक, खंयचेयी देवाक पूजा–पाठ, अर्चना–आराधन केल्यारियी जे तरेन मनुष्यालि श्रद्धा आसता ते तरेन ताका परमात्मा पावनुं तांक इच्छित फ़ल प्राप्त करनुं दिता – ''यो यो यां यां तनुं भक्त: श्रद्धयाऽचिंतुमिच्छामि । तस्य तस्याचलां श्रद्धां तामेव विदधाम्यहम् ॥ स तथा श्रद्धया युक्तस्तस्याराधनमीहते । लभते च तत: कामान् मयैव विहितान् हि तान् ॥''.

जें फ़ल मनुष्याक प्राप्त जाता तें तांग–तांगेले श्रद्धेक लागून आनि ते ते माध्यमांतु आशिल्ले शक्त्यानुसार प्रप्त जाता. कृष्ण सांगता किं विषय वासनेक आनि इच्छा, कामना आसक्तीक लागून जें फ़ल अल्प बुद्धीचे जनांक परमात्माले अंश रूपान आशिल्ले ते ते शक्ति कडचान प्राप्त जाता तें क्षणिक, अनित्य आनि नाशिवंत आसून ते अंश रूपान आशिल्ले देवांक पावताचि; जे भक्तजन पूर्ण रूपन आशिल्ले सर्व भाव, भक्तीन परमात्माक शरण गेलिल्यान ते परमात्माक पावताचि – ''अंतवंतु फ़लं तेषां तद्भवत्यल्पमेधसाम् । देवान् देवयजो यां मद्भक्ता यांति मामपि ॥''.

ज्ञानी आनि मूढ मनुष्यांतु इतलोचि फ़रक आसता. ज्ञानी मनुष्य जाणता किं परमात्मा विद्युत शक्तीचे रूपान सूक्ष्म असून ताका रूप–आकार नाशिल्यान तो इंद्रियांक उपलब्ध ना. ज्ञानी मनुष्य कृष्णालें स्थूल आकार माध्यम म्हण्णुं वापरनुं तांतू निपून अदृश्य रूपान आशिल्लें सनातन, अविनाशी अव्यक्त, अरूप जाणता. मायेचे प्रभावन भ्रमांतु आशिल्ले अल्पबुद्धीचे मूढ मनुष्य इंद्रियांचे माध्यमांतल्यान वस्तु–पदार्थ उपलब्ध जायत आशिल्यान परमात्मा उपलब्ध जाता म्हण्णुं मानताचि. पुण कृष्णाले अनित्य, विनाशी प्राकृतिक मनुष्य रूप पोळोवनुं तागेलेप्राकृतिक रूप–आकारांतु आशिल्लें अव्याकृत अव्यय तत्व जाणना – ''अव्यक्तं व्यक्तिमापन्नं मन्यंते मामबुद्धय: । परं भावमजानंतो ममाव्यमुनत्तमम् ॥''.

''किंतु भक्त वे मुझे नहीं जानते । कल्पनाके बाहर नहीं पडते । इसीलिये कल्पित फ़ल है पाते । नाशवंत जो ॥ .. या अमृतकुंडमे डुबकर । होटोंको धृढतासे दबाकर । स्मरण करता है निरंतर । डबरेका पानी ॥ .. असीम पर क्यों सीमाका नियमन । मुक्त निराकारको आकार बंधन । स्वयंसिद्धका करन्मा क्यों बलिदान । साधन अपर ॥'' (ज्ञानेश्वर).

मूढ, अज्ञानि मनुष्य समजता कीं दिवो प्रकाशा पसरायता. ज्ञानी मनुष्य जाणता किं दिव्यांतलि अदृश्य शक्ति प्रकाशा पसरायता – ''नाहं प्रकाश: सर्वस्य योगमायासमावृत: । मूढोऽयं नाभिजानाति लोको मामाजव्ययम् ॥''. देकून कृष्णान दिलिलो हात श्रद्देन स्वीकारनुं परमात्मालें अव्यय परमस्वरूप, परम भाव, परमब्रह्मत्व अनुभवचे जन क्वचित् आसताचि. मन आनि अंत:करण अदृष्य मायाशक्तीक लागून मोहांतु पडनुं आपण्याले हातान आपण्यालो नाश करनुं घेवचें मूढ जन जास्त आसताचि.

कृष्ण भूत, वर्तमान आनी भविष्या काळ आनि काळाचे पेलतडेन सर्व जाणता, पुण ताका कोणींयी जन जाणनांचि – ''वेदाहं समतीतानि वर्तमानानि चार्जुन । भविष्याणि च भूतानिमाम् तु वेद न कश्चन''. सर्व विश्वांतु कृष्णाले अस्तित्व पोळोवचि क्षमता सर्वांक आसना. साधारण मनुष्य सच्चिदानंद स्वरूप देह, रूप, आकारांतु शोधता, शब्दान ताका भजता, पुण ताका आकारांतु आशिल्लि नामतत्वा, उर्जा, शक्ति जाणचि क्षमता आसना. परमात्माले आकारांतु सच्चिदानंद निराकार स्वरूप पोळोवचें म्हळयार घरांतु बसून खिडखींतल्यान आकाश अजमावचें तशें जालें. कृष्णालें साकार रूप स्थूल इंद्रियांचे मुखांतर पोळोवचें सुलभ आसता, कृष्णालें अज्ञात निराकार सच्चिदानंद स्वरूप पोळोवचें कठीण आसा. देवकीपुत्र कृष्ण केवल एक मनुष्य न्हंय तर परमात्मान उपयोजनेंर्तु हाडिल्लें एक प्रभावी माध्यम जावनुं आसा. हे जर मानलें तर कृष्णाले दृष्य स्थूल शरीरांतु अदृश्य रूपान आशिल्लें सूक्ष्म परमतत्व जाणचांतु येतालें, जे तरेन घरांतले सीमित साकार अवस्थेंतल्यान भायर आयिल्यान सर्वत्र पसरिलो असीम निराकार परमात्मा दिसतालो इतलोचि न्हंय तर अनुभवचांतु येतालो.

कृष्ण म्हणता किं जे जन इच्छा द्वेस करताचि तांगेले मनांतु मोह निर्माण जालिल्यान स्रिश्टींतु द्वंद्व पळयताचि आनि ताका लागून सर्व विश्व भ्रमांतले द्रिश्टिकोणांतल्यान पळयताचि. पुण जे पुण्याचें श्रेय कर्म करताचि तांगेलें सर्व पाप नाश जावनुं ते दोशमुक्त जावनुं परमात्माले स्मरण–पूजन एकाग्रतेन करताचि – ‘‘इच्छाद्वेषसमुत्थेन द्वंद्वमोहेन भारत । सर्वभूतानि संमोहं सर्गे यांति परंतप ॥ येषां त्वंतगतं पापं जनानां पुण्यकर्मणाम् । ते द्वंद्वमोहनिर्मुक्ता भजंते मां धृढव्रताः ॥’’.

भारतीय धर्म संप्रदायेंतु मनुष्याले स्थूल शरीर भौतिक पातळीवयर इंद्रियां वयर संयम आनि नियंत्रण दवरिले नाशिल्यान घातक म्हण्णुं मानचांतु येता तितलेंचि तें शरीर अध्यात्मिक पातळीवयर इंद्रियां वयर संयम आनि नियंत्रण दवरिल्यान प्रयोजक जावू शकता. देकून ‘‘शरीरमाद्यं खलु धर्मसाधनम् ।’’ म्हण्णुं कालीदासान म्हळयार श्री शंकराचार्य – ‘‘इतः को न्यास्ति मूढात्मा यस्तु स्वार्थे प्रमाद्यति । दुर्लभं मानुषं देहं प्राप्य तत्रापि पौरुषम्॥’’ म्हण्णुं सांगिल्यान शरीर उदरभरणाचे केवल एक प्रेय माध्यम, साधन म्हण्णुं उपयोजनेंतु हाडनुं ताजि अवहेलना करत नासताना आत्मोद्धारा खातिर योग्य साधन, माध्यम म्हण्णुं उपयोजनेंतु हाड;यार तें श्रेयस्कर आसतालें. कृष्ण कामवासनेचो उपयोग धर्माचे प्रतिकूल इंद्रिय सुखा खातिर करत नासताना धर्माचरणेक अनुकूल करनुं विकसित केल्यार परब्रह्म परमात्मालो सहवास निश्चित संभवतालो.

वैष्णव संप्रदायेंतु शरीराक परमात्मालें मंदिर म्हण्णुं कल्पना करनुं ताजे वेग–वेगळे अवयवाक गोपिचंदन, कुंकुम, अश्टगंधान शोभित करनुं वेग–वेगळे स्थानवयर मन केंद्रित करनुं परमात्मालें चिंतन, न्यास करचि प्रथा आसा – ‘‘ललाटे केशवं ध्यायेन्नारायणमथोदरे । वक्षस्थले माधवं तु गोविंदं कंठकुवरे ॥ विष्णुं च दक्षिणे कुक्शौ बाहौ च मधुसूदनम् । त्रिविक्रमं कंधरे तु वामनं वामपार्श्वके ॥ श्रीधरं वामबाहौ तु हृषिकेशं तु कंधरे । पृश्ठे तु पद्मानाभं च कव्यां दामोदर न्यसेत् ॥’’.

संसारांतले सर्व जन जीवानांतु इंद्रियांचे प्रभावाक लागून आसक्त किंवा विरक्त जावनुं मनांतले बरे–वायट, राग–द्वेश, घृणा–वैर असले द्वंद्व विचारांनि भांभावनुं आपण्याले जीवन सोंपयताचि. पुण ज्ञानी जन परमात्मालें स्मरण, मनन, ध्यान करनुं मनांतल्यान इच्छा, कामना, बरे–वायट, राग–द्वेश, घृणा–वैर असले द्वंद्व विचार समूळ नाश करनुं पूर्णतरेन परमात्माक समर्पित जावनुं अंतःकरणांतु परमात्माले अक्षय अस्तित्व अंकुर जावचाक अवकाश दिताचि. भागवत पुराणांतु परमात्माक प्राप्त करचाक भक्तीचे णव प्रकार – ‘‘श्रवणं कीर्तनं विष्णोः पादसेवनम् । अर्चनं वंदनं दास्यं सख्यमात्मनिवेदनम् ।’’ दाखयिले आसाचि. ताका लागून तांगेलो ‘अहं’ भाव विसर्जन जावनुं थंय ‘त्वं’ – केवल परमात्मा ही भावना प्रगट जातालि.

मैत्रि उपनिषदांतु एक साधक विचारता किं थोडे जन अग्नि, वायु, सूर्य, काळ, प्राण, अन्न, ब्रह्म, रुद्र वा विष्णु पूजताचि. हांतूत खंयचो देव श्रेष्ठ आसता? तेन्नां ऋशी म्हणता किं ते सर्व एक अद्वितीय, अविनाशी आनि अव्यक्त निराकार परब्रह्मान सृजन, अविष्कार केलिले विंग–विंगड रूपं जावनुं आसाचि. देकून खंयचेयी रूप माध्यम म्हण्णुं आराधना केल्यारियी अध्यात्माचो प्रवास पायरि पायरीन अंतिम लक्ष्य प्रापत करता – ‘‘ब्रह्म खल्विदं वाव सर्वम् । यावस्य अग्र्यास्तनवस्तभिध्ययेद् अर्चयन् निन्हुयच्च । अतस्ताभि सहैरोपरि उपरि लोकेषु चरति । अतः कृत्स्नयच्च एत्वं पुरुषस्य पुरुषस्य ॥’’.

जेन्नां मनुष्याक आकाराचे पेलतडेन आशिल्ले सत् दिसचाक लागता तेन्नां तो मनुष्य ज्ञानी म्हण्णुं घेवचाक पात्र जाता. सत् म्हळयार अस्तित्व जें सत्य, अस्तित्व, सच्चिदानंद स्वरूप असता; असत् म्हळयार तें जें मायेक लागून विपरीत दिसता. सत् दिसून येना तर चैतन्य फ़ळाक येवचें ना, चैतन्य फ़ळाक आयलें ना तर आनंद प्राप्त जावचो ना. जे परमात्माले अव्याकृत सत् स्वरूप वाकृत जालिले नाम–रूपांतु जाणताचि ते वर्तमानाचो अंत काळ आयले किं मन स्वकेंद्रित जालिल्यान निश्चितरूपान परमात्म पदाक प्रयाण करता. सर्व संशय परिहार जालिल्यान सर्वत्र पसरिले सच्चिदानंद परमात्मालो साक्षात्कार प्राप्त करनुं घेवचि क्षमता केवल ज्ञानी मनुष्याक आसता.

दॆकून ज्ञानी मनुष्य निराकार सच्चिदानंद परमात्माक देह, रूप, आकार, देव, धर्म, संप्रादयाचॆ संकुचित, सीमित पूर्वगृहित विचारांनि प्रभावित जायत नासताना श्रद्धावान् जावनुं नित्य निरंतर स्मरण चिंतन, ध्यान, धारण करनुं उदार आनि विस्तृत जालिलॆ अंतरमनाचॆ द्वार उघडनुं कठ उपनिषद – ''अंगुश्टमात्रः पुरुषॊ मध्य आत्मनि तिष्ठति ।'', ''ऊर्ध्वं प्राणमुन्नयत्यपानं प्रत्यगस्यति । मध्यॆ वामनमासीनं विश्वॆ देवा उपासतॆ ॥''म्हण्णुं वरणन कॆलिलॆ परमात्माक प्रवॆश दीत, प्रार्थना करत, धन्यवाद, कृतज्ञता व्यक्त करता. साधकालॆं अंतर्मनांतु प्रगट जालिलॆं अंकुर चिगुरनुं सस्य रूपान संबंध वृक्ष जातालॊ. तॆ पारिजात वृक्षाक भक्तिचॆ कळॆ फ़ूलनुं परम आनंदाचॊ सुगंध सर्वत्र पसरतालॊ. परमात्मालॊ तॊ परम आनंदाचॊ सुगंध ताका सदा सर्वदा प्रकाशाचॆ किरणं झळकचॆ उत्तुंग शिखरावयर पावयतालॊ. मनुष्यान कॆलिलॆं सर्व भौतिक तितीक्षा, अधिदैविक जिज्ञासा आनि अध्यात्मिक ध्यान–धारणा परमात्मांतु मॆळिल्यान तॊ सर्व पाप–पुण्यांतल्यान आनि जन्म–मरणांचॆ वर्तुळांताल्यान मुक्त जावनुं तॊ ब्रह्ममय जातालॊ – ''साधिभूताधिदैवं मां साधियज्ञं च यॆ विदुः । प्रयानकालेऽपि च मां ते विदुर्युक्तचेतसः ॥''.

०००००



# *अध्याय आठवो*
# *धारणा योग*

सामान्य मनुष्य संसारांतु भौतिक पातळीवयर इंद्रियान प्रभावित जावनुं शरीताचो मरण हें निश्चित आसता पुण समय अनिश्चित आसता म्हण्णुं समजून भयान त्रासिल्लो आसता. देकून तो तागेले जीवनांतु कसलेयी निश्चित लक्ष्य, धेय, धारणा नासताना संसारंतु अडखळत, घुटमळत, यंत्रवत् चलत आसता. अर्जुन सामान्य मनुष्य न्हंय, पूर्व जन्मांतु ऋशी नारायणाले बरोबर बदरींतु नर नांवान तप केलिलो एक महान् ऋशी आसून वर्तमान जन्मांतु क्षत्र गुण स्वभावान प्रभावित जालिलो महान् योद्धा आसता. युद्धांतु तागेले स्वत:चे शरीरा नाश जाववचे शक्यतेक लागून तो चिंतित ना, पुन युद्ध करचाक रणांगणावयर जमिले तागेले आप्त-बांधवाले शरीरा नाश जाताले म्हण्णुं तो मोहांतु आनि मन संभ्रमांतु आसा.

कृष्णाले वचन आदरान आयकल्यारियी अर्जुनालें मन शांत ना, अंत:करणांतु समधान ना. मनाचे बंद द्वार अजून पूर्ण उघडिले नंचि. तागेलें कुतूहल, जिज्ञासा वाढत आसा, आयकलिले सर्व उत्रांचे विस्तारान स्पश्टीकरण जाय. जे तरेन नव्यान उदाक घालिले झाडाक नवे नवे अंकुर, फ़ांदे, पानं आयिले तरेन तागेके मनांतु नवे नवे प्रश्ने उठताचि. देकून अस्वस्थ मनान पयले विचारिले प्रश्न्यांचे परीक्षण पूर्ण जावचे पयलें तो दुसरे प्रश्ने विचारता जशें कांय अर्जुनाक जितलो रस प्रश्ने विचारचांतु आसता तितलो रस प्रश्न्यांचे उत्तर आयकुवचांतु ना.

सर्व साधारणत: उपदेश दिवचे गुरूक नवे विचार, संस्कार, उपदेश दिवचे पयलें उपदेश घेवचे शिष्याले मनावयर वर्तमान जीवनांतु अनुभवचांतु आयिले विचार, संस्कार पूर्ण तरेन विसर्जन करनुं थंय नवे विचार, संस्कार प्रस्थापित करचाक अवकाश दिवचाक जाय. कृष्ण ज्ञान-विज्ञानाचे पैलतडेन आशिल्ले विद्यासागर जावनुं आशिल्यान जें तो सांगता तें त्रिकाळाचे पैलतडेन आशिल्लो सनातन अव्यय योग आसता, जो समजचाक परिचित आनि प्रचिलित शब्द भांडार उपयोजक आसल्यारियी तो समजचाक आनि समाधान दिवचाक पूर्ण तरेन साध्य जावचें ना. देकून अर्जुनाले मनांतु भौतिक पातळीवयर निर्माण जालिलो मोह नाश करचो आसल्यार कृष्णाक पयलें भौतिक पातळीवयलें तागेलें अज्ञान विसर्जन करनुं थंय अध्यात्माचें गूढ रहस्य, तत्व प्रस्थापित करचें पडतालें.

कृष्णालो पयलो उद्देश अर्जुनाले मनावयर आशिल्लो मोह नाश करचो आसता शिवाय ताका अध्यात्माचें गूढ रहस्य, तत्वज्ञान समजावचें नाशिल्लें. पुण जे तरेन पायांतलो कांटो काडचाक कांटोचि वापरचें पडता ते तरेन अर्जुनाले जीवनांतले भौतिक ज्ञान विसर्जन करनुं थंय अध्यात्माचें ज्ञान-विज्ञान प्रस्थापित करचक भौतिक ज्ञान तर्क-वितर्क, वाद-विवाद करनुं उपयोजनेंतु हाडचें पडलें. पुण भौतिक पातळीवयले स्पश्टिकरणान अर्जुनाक आता सामाधान जायना, ताका अध्यात्मिक पातळीवयर विश्लेशण जाय. देकून अर्जुन कृष्णाक विचारता – "किं तद्ब्रह्म किमध्यात्मं किं कर्म पुरुषोत्तम । अधिभूतं च किं प्रोक्तमधिदैवं किमुच्यते ॥ अधियज्ञं कथं कोऽत्र देहेऽस्मिन्मधुसूदन । प्रयाणकाले च कथं ज्ञेयोऽसि नियतात्मभि ॥".

अर्जुनाले मनस्थितींतु आनि द्रिश्टीकोणांतु जालिलो बदल पोळोवनुं कृष्णाक सुखदाश्चर्य जालें. देकून एक क्षण सुद्धा वाट पळयत नासताना तो अर्जुनाले प्रश्न्याचे उत्तर अध्यात्मिक पातळीवयर परमात्मालें मूळ स्वरूपाचे निदर्शन करचाक सुरवात करता. म्हणताचि किं बादरायण ऋशीक अध्यात्माचें ज्ञान–विज्ञान जन सामान्यांक समजचे तसले शब्दांतु विवेचन करताना ब्रह्मसूत्रा तसलो प्रदीर्घ ग्रंथ बरोवचो पडलो खंय ! पुण कृष्णाक ग्रंथ बरोवचो नाशिल्लो पुण अर्जुनाले मनांतलो मोह नाश करचो आशिल्लो, ग्रंथ बरोवचो नाशिल्लो. देकून पयलें प्रथम अध्यात्माचो प्रवास करचे मनुष्याले मार्गावयर भौतिक पातळीवयले अनेक आकर्शक दृश्य दिसचांतु येताचि, अनेक नाद, संगीत अयकुवचांतु येताचि पुण लक्ष्य केवल अंतिम सत्यावयर स्थिर दवरनुं मार्ग क्षणान् क्षण चलचे साधकाक समजांतु येतालें किं परमात्माले अव्याकृत अस्तित्व स्थूल वस्तु पदार्थांतु अभिव्यक्त जाल्ल्यारियी स्थूल वस्तु पदार्थ म्हळयार परमात्मा न्हंय. अध्यात्माचो मार्ग चलताना भौतिक पातळीवयर ज्ञात आशिल्ले साधन, माध्यम म्हण्णुं उपयोजनेंतु हाडनुं, हातान सावकाश चाचपत, चाचपत, पडल्यार उठून सावरत सावरत अज्ञातांतु प्रवेश करनुं पूर्ण करचो आसल्यारियी ती साधनं, माध्यमं विकल्प जावूं शकनांचि.

किंबहुना परमात्मालें अस्तित्व अव्याकृत, नित्य, अविनाशी, निष्क्रिय, अरूप, अव्यय, अक्षर रूपान आसचें परमात्मालो स्थायी भाव जावनुं आसून केन्नांयी क्षीण, किंवा कमिं जावचें नाशिल्यान – ''अक्षरं ब्रह्म परमं स्वभावोऽध्यात्मुच्यते ।'' मण्णुं व्याख्या करता. ताका प्रारंभ ना अंत ना, जन्म ना मरण ना. परमात्मा निराकार आशिल्यान ताका आकार ना, अंतिम लक्ष्य जावनुं आशिल्यान ताका प्रमाण ना. देकून तो पोळोवचांतु, आयकुवचांतु, आफ़ुडचांतु, धरचांतु, सोडचांतु, समजचांतु येना. तो आसा म्हळ्ळे शिवाय गत्यंतर ना – ''अस्तीति बृवतोऽन्यत्र कथं तदुपलभ्यते ।''. अध्यात्मिक मार्गावयरचो अक्षर परमात्मालो शोध भौतिक क्षर पातळीवयर सुरु केलो तरियी तो शोध मनुष्यान आपण्यालें शरीर, मन, वाचा आनि कर्म शुद्ध, स्वतंत्र, श्रद्धावान् पवित्र दवरिल्यान मनांतल्यान सर्व भौतिक ज्ञान विसर्जन आनि परमात्माले ज्ञान–विज्ञानाचो भाव अनुभवलिल्यान पूर्ण जाता.

सामान्य जन परमात्मालो विचार सर्व साधारण अध्यात्मिक पातळी वयर करनांचि जितलो ते भौतिक पातळी वयर आपण्याले शरीर आनि शरीराचे जन्म मरणाक लागून करताचि. देकून सामान्य मनुष्य शरीरांतु आत्मरूपान चैतन्य आगमन जालिल्यान जन्म जाता आनि आत्मरूपान आशिल्लें चैतन्य शरीरांतल्यान निर्गमन जालिल्यान मरण येता म्हण्णुं मानता. मनुष्याले जन्म मरणाचे अंतराळांतु जें शक्तीक लागून कर्म करचांतु येता ते प्रक्रियेक विसर्ग म्हणताचि – ''भूतभावोद्भवकरो विसर्गः कर्म संज्ञितः ॥''.

स्रिश्टींतु अकारण किंवा अकस्मात् अशें कांयी घडना. ज्ञानी जन जाणताचि किं शरीर अशुद्ध, अपवित्र, जीर्ण जावनुं नाश जाताचि म्हण्णुं शरीरांतु नित्य, निरंतर सनातन, सत्य स्वरूप आशिल्लो आत्माक जन्म–मरण ना, जीर्ण, किंवा नाश जायना. शरीराचे जन्म मरणाचि प्रक्रिया परमात्मान जीवाक प्राप्त करनुं दिवचांतु येवचि एक व्यवस्था, नवि–नवीन संधि आसा. सामान्य जन जेन्नां जन्म आनि मरणाचो विचार करताचि तेन्नां तो विचार भौतिक पातळी वयर शरीरान सुख दुःख भोगचे विशय आसता, अध्यात्मिक पातळी वयर शरीरांतु आसचे चैतन्य विकसित करचे विशय न्हंय.

उपनिषदेंतु जारतकार आर्तभाग विचारता : मनुष्य मेले नंतर जेन्नां तागेलि वाचा, प्राण, द्रिश्टी, मन, कान आप–आपण्याले मूळ स्थानाक परत वताचि, तेन्नां आत्मा खंय वता? याज्ञवल्क्य सांगता किं जेन्नां मनुष्यालें शरीर जीर्ण, क्षीण, नाश जाता तेन्नां पयलेचे जीवनांतु झगझगचे आकर्षक विषयांचे इंद्रियां वयरचे प्रभावाक लागून एकत्रित केलिले कर्मांचे मूल्यांकन आनि नवे शरीराचि, जीवनाचि रूप रेषा निर्माण जाता, देकून संसाराचो प्रवास बंद जायना.

कृष्ण अर्जुनाक संसार चक्राचि गतिविधि दाखयत सांगता किं अनंत काळाचे सुरवाती पासून जेन्नां आत्मा एक शरीर सोडता तेन्नांचान सुखाचे आसक्तीक लागून संसार चलत आसल्यारियी पुनर्जन्म पयले

संसारांतु अनुभवचाक शक्य जालिले नाशिल्लो सुख–दु:खाचे क्षण, विचार, संस्कार, भूतकाळंतल्यान एकत्रित जलिले कर्मफ़ल, कर्मानुसार भोग भोगचाक नवे शरीर प्राप्त करनुं दिलिलि एक संधि आसता. नवे शरीरांतु केलिलें कर्म श्रेयस्कर आसल्यार मनुष्य ऊर्धवगतीचे दिशेन वता; इंद्रियांचे प्रभावन प्रेय कर्म मात्र केल्यार तें अधोगतीचे दिशेन वता.

जीवनांतु शरीराचो भाव क्षर, जीर्ण, क्षीण किंवा नाश जावचो आशिल्यान शरीर अधिभूत म्हण्णुं, जो पुरुषरूपान नित्य, निरंतर सनातन ते शरीरांतु आसता तो अधिदैव म्हण्णुं आनि जो शरीरांतु यज्ञपुरुशाले रूपान सर्वांचो उपभोग घेत, देहा पेक्षां महान् आसता तो परमात्मा म्हण्णुं समजचाक जाय – ''अधिभूतं क्षरो भाव: पुरुषश्चाधिदैवम् । अधियज्ञोऽहमेवात्र देहे देहभूतां वर: ॥''.

''अधिभूतं क्षरो भाव:'' म्हळयार जें स्थूल रूपान व्याकृत जालिलें आसता तें बदलत, रूपांतरित, परिवर्तन जायत क्षर नाश जावचो भाव प्रकृतींतु जाणवता. जर जीवन इंद्रियांन प्रभावित जावचाक दिलें तर तागेले विचार, आचार, कामना बदलत, रूपांतर, परिवर्तन जायत स्थिर, योगयुक्त जावचे नांचि. आनि तांका जन्म–मरणाचे चक्रांतु तडफ़डत आसचें पडतालें. पडतालें. जर जीवन ज्ञान–विज्ञानान प्रभावित जावचाक दिलें तर तागेले विचार, आचार, कामना योग्य तरेन योगयुक्त जावनुं जिवन प्रभावित जातालें. विचार, आचार, कामना योगांतु परिवर्तन जावनुं तागेले मरणाचे क्षण सुद्धां शुद्ध, सरळ, पवित्र जावनुं जन्म–मरणाचे चक्रांतल्यान मुक्ति आनि परमात्मालें परम पद प्राप्त जावचाक सक्षम जातालें. यज्ञांतु केलिलि पूजा–आराधना किंवा हविरूपान समर्पण केलिलो प्रसाद जो कोण उपभोग करता तो अधियज्ञ रूपान धांतु आसचो परमात्मा – ''अधियज्ञोऽहमेवात्र देहे देहभूतां वर: ।''. अध्यात्माचे लांब प्रवास करचे ज्ञानी मनुष्याक शरीराचो मोग ना, मरणाचें भय ना. कारण जन्माक आयिलें शरिर निस्चित नाशा जाता, शरीरांतु आसचे आत्माक जन्म नाशिल्यान मरण ना.

ज्ञानी मनुष्याले अभिप्रायान मनुष्यालो खरो जन्म ज्ञान–विज्ञान प्राप्त जाले नंतर सुरवात जाता आनि जन्माचो अंत जन्मा–मरणाचे वर्तुळांतल्यान, संसाराचे चक्रव्यूहांतल्यान सुटून परमात्माले सनातन लक्ष्य प्राप्त केलिल्यान सोंपता. कृष्ण सांगता किं जो मनुष्य ज्ञान–विज्ञानान परिपूर्ण जावनुं आपण्याले अंत:करणांतलि चैतन्याचि ज्योत यज्ञ कुंडांतले वैश्वानर आग्नि तरेन नित्य निरंतर प्रज्वलित दवरनुं परमात्मालें नामस्मरण, भजन, संकीर्तन, चिंतन, ध्यान, धारणा करता तो स्वत:चे सर्वस्व परमात्माक समर्पण करनुं शरण गेलिल्यान निश्चयान शरीर नाश जाले नंतर परमात्माले भावस्वरूपांतु समावेश जातालो – ''अंतकाले च मामेव स्मरन् मुक्त्वा कलेवरम् । य: प्रयाति स मद्भावं याति नास्त्यत्र संशय: ॥''.

कारण उपनिषदांतु सांगल्यां किं जे तरेन मनुष्य विचार करता ते तरेन तागेलें मन आकर्शित जावनुं ताका कर्म करचाक प्रवृत्त करता – ''यथाकारी यथाचारी तथा भवति, साधुकारी साधुर्भवति, पापकारी पापो भवति ; पुण्य: पुण्येन कर्मणा भवति, पाप: पापेन । अथो खल्वाहु: काममयं एवायं पुरुष इति ; स यथाकामो भवति तत् क्रतुर्भवति, यत् क्रतुर्भवति तत्कर्मं कुरुते, यत्कर्मं कुरुते तदभिसंपद्यते ॥... तदेव सक्त: सह कर्मणैति लिंगं मनो यत्र निषक्तमस्य ।''. जे मनुष्यालें मनांतु वासनेन आकर्शित जायना, जे मनुष्याले मनांतु कामना ना, कोणांलि कामना निष्काम आसता, जो कामना पासून मुक्त आसता, कोणांलि कामना तृप्त आसता, कोणांलि कामना आत्मावयर निर्भर आसता तागेलो प्राण अस्थिर जायना, तो ब्रह्मस्वरूप आशिल्यान ब्रह्मस्वरूप जाता – ''योऽकामो निष्काम आप्तकाम आत्मकामो न तस्य प्राणा उत्क्रामंति, ब्रह्मैव सन्ब्रह्माप्येति ॥''.

मानचांतु येता किं जेन्नां मनुष्याले शरीर जीर्ण, क्षीण जावनुं नाश जावचो क्षण लागिं आयिलो आसता तेन्नां तागेलें मन अत्यंत सूक्ष्ण आनि संवेदनशिल जालिल्यान ताका आपण्यालो भूत काळांअतले सर्व प्रसंग चलचित्रा तरेन दोळ्या मुखार येताचि. तागेलो पूर्वाश्रमाचे जीवनाचे आधारा वयर भविष्य काळांतले जीवनाचि रूप रेषा निर्भर आसता. देकून अंत समय आयले तेन्नां मनुष्याले मनांतले विचार अत्यंत महत्वाचे आसताचि. अंत

समयाचे विचार सात्विक आसल्यार पूर्वजन्माचे कर्मफ़लाक लागून जे सुख–दु:ख भोगचे आसता तें सात्विक विचारांचे सावळींतु व्यतीत जातालें. अंत समयाचे विचार राजसिक किंवा तामसिक आसल्यार पूर्वजन्माचे कर्मफ़लाक लागून जे सुख–दु:ख भोगचे आसता तें राजसिक किंवा तामसिक विचारांचे सावळींतु व्यतीत जातालें.

देकून जेन्नां कृष्ण – ''यं यं वापि स्मरन्भवं त्यजत्यंते कलेवरम् । तं तमेवैति कौंतेय सदा तद्भावभावित: ॥'' म्हणता तेन्नां तें ताणें परमात्माले भुमीकेवयल्यान दिलिलें आश्वाअन आसा. जो मनुष्य परमात्माले नामस्मरण, ध्यान धारणा नित्य निरंतर करत आसता तागेले नश्वर शरीर त्याग करतान तागेले विचार परमात्माले सात्विक भावनेन प्रभावित आसता. 'तद्भावभावित:' किंवा 'मद्भावमागत:' म्हळयार परमात्मालो भाव आत्मसात् जाअवचो आसता.

परमात्मालो भाव आत्मसात् दोन तरेन संभवता – अंतरंगांतु अंशरूपान आशिल्लें परम नामतत्व सृजन केलिल्यान किंवा शास्त्रसंमत ज्ञान–विज्ञानान अंत:करणांताले अज्ञान विसर्जन केलिल्यान परमात्मालो भाव प्रगट जाता. परमात्मालो भाव आत्मसात् जावचे साधकाक भौतिक पातळीवयर स्त्री किंवा पुरुष, वयान ल्हान किंवा व्होड, सुंदर किंवा कुरूप, उच्च किंवा नीच वर्ण–जाति, ब्राह्मण, क्षत्रिय, वैश्य किंव शुद्र, साधु–संत, दानव, राक्षस, गंधर्व किंवा नाग असले तांगेले अवस्थे वयर निर्भर नाशिल्यान सर्वांक परमात्माले पद प्राप्त जावचाक अवकाश आसता. वृषपर्वा, बलि, मय, विभीषण तसले राक्षस, सुग्रीव, हनुमान, जांबुवान, ऐरावत, जटायु तसले जनांवर, व्याध, कुब्जा, गोपीजन हे सर्वांनि वेद ज्ञान नासल्यारियी, तप केलिले नासल्यारियी केवल अनन्य भक्ति आनि शरण गेलिल्यान परमात्माले परम पद प्राप्त केलिलें आसा – ''व्याधस्याचरणं धृवस्य च वयो विद्या गजेंद्रस्य का । का जातिर् विदुरस्य यादवापतेर् उग्रस्य किं पौरुषं । कुब्जाया: कमनीयरूपमधिकं किं तत् सुदाम्नो धनम् । भक्त्या तुष्यति केवलं न तु गुणै: भक्ति प्रियो माधव: ॥''.

भक्त परमात्माले नाम स्मरण करचाक प्रवृत्त जाता, कारण तो परमात्माक नित्य निरंतर नितांत प्रेम करता. ताका कसलेयी इच्छा, आकांक्षा आसना, वेगळें जीवन आसना. श्वासा तरेन तो परमात्माले शिवाय तो जगू शकना. भक्त जेन्नां परमात्माक शरण वाता, तेन्नां तागेले सर्वस्व परमात्माक समर्पण करता, जाका लागून विभक्त जालिलो तो पूर्ण तरेन परमात्मांतु सभक्त जाता. ताका लागून भक्तान करचें नामस्मरण, भजन, कीर्तन हीं सर्व इंद्रियान प्रभावित जायत नासताना परमात्माले खातिर करचें कर्म, कर्म करचांतु येवचि प्रक्रिया आनि कर्म जाता. प्राप्त जालिलें फ़ल, संसिद्धि परमात्माक समर्पित जालिल्यान कर्म आनि कर्मफ़लाचें दायित्व मनुष्यालें न्हंय तर परमात्मालें आसतालें. तेन्ना मनुष्याक पाप–पुण्याचि किंवा नरक–स्वर्गचि चिंता आसचि ना. कारण परमात्मालें परम पद प्राप्त जाता ताका परत पुनर्जन्म आसचो ना.

अध्यात्माचो प्रवास भायर भौतिक पातळीवयर शास्त्र श्रवण, नाम स्मरण, मूर्ति पूजन, तीर्थाटन करनुं सुरवात जावनुं मनावयर संयम, इंद्रियां वयर नियंत्रण दवरनुं अध्यात्माचें सनातन स्रोत भितर चिंतन, मनन, ध्यान–धारणा करनुं अंत:करणांतु दिव्य अंतर्ज्योत प्रज्वलित जावनुं शोधिल्यान खंय आनि केन्ना आयलो हें समजत नासताना अव्यक्त निराकार, अव्य्य, अक्षर परमात्मालो साक्षात्कर जातालो. देकून अर्जुनाक कृष्ण प्रोत्साहन दिता – ''तस्मात्सर्वेषु कालेषु मामनुस्मर युध्य च । मय्यर्पितमनोबुद्धिर्मामेवैश्यस्यसंशय: ॥''. अध्यात्माचो प्रवास कितलो कठीण आनि मार्ग कितलो दुर्गम आसल्यारियी प्रत्येक मनुष्याक आपण्यालो प्रवास स्वत: करचो आसा. देकून परमात्मालें स्मरण, चिंतन नित्य निरंतर आसता तर आब्यासान तागेले जीवनाचे अंत समयाक तागेलो भाव परमात्माले परम पवित्र, शुभ संकल्पान परिपक्व आसतालें – ''अभ्यासयोगयुक्तेन चेतसा नान्यगामिना । परमं पुरुषं दिव्यं याति पार्थानुचिंतयन् ॥''.

'अभ्यासयोगयुक्तेन' म्हळयार जें कर्म नित्य करचांतु येता तें मन–वाचा–कर्मान परमात्माले नाम् अस्मरण करचें आसता. 'चेतसा नान्यगामिना' म्हळयार चेतना अस्थिर जावचक अवकाश दीनासताना मनुष्यान अलिप्त

आसचें. ध्यान म्हळयार शरीरांतले स्थूल दोळे बंद करनुं भायले स्थूल प्रकृति पळयत नासताना बसचें न्हंय तर भितरले सूक्ष्म अप्राकृतिक दोळे उघडनुं अंतरंगांतु पसरचो प्रकाश अनुभवचें आसता. जेन्नां ध्यान उपलब्धीचे रूपान प्राप्त जाता तेन्नां परमात्मालि शक्ति मन आनि अंतःकरणांतु सहज, सरळ, सुरळीत सृजन जावनुं जे दिशेन प्रवाहित जावचाक जाय ते दिशेन उत्सृज्य जाता.

चेतना एक ऊर्जा आसता, जाका प्रारंभ किंवा अंत नासून तीन तरेन प्रमाणित जाता – बीज, वृक्ष आनि फ़ूल–फ़ल. बीज जेन्ना वृक्षाचे रूपान, वृक्ष फ़ूलाचे रूपान, फ़ूल फ़लाचे रूपान बदलता, रूपांतर, परिवर्तन जाता तेन्नं जी चेतना, ऊर्जा बीयेंतु आसता, तीचि चेतना, ऊर्जा फ़ूलांतु, फ़लांतु निःसंशय, निर्विवाद आनि निश्चित आसता. देकून परमात्माक समर्पण करचें म्हळयार आपण्याले जीवनांतले प्रत्येक क्षणांतले प्रत्येक अनुभव, प्रसंग परमात्माले चरणांतु शरण रूपान समर्पित करचें आसता.

चेतना, ऊर्जा परमात्माले चरणांतु शरण रूपान समर्पितकेलिल्यान सागरातरेन व्यापक, विशाल आनि नदीतरेन प्रशस्त आसून प्रवाह रूपान सर्व दिशेन सतत, निरंतर, अव्याहत पसरत आसता. जे तरेन नदी वयले उत्तुंग पर्वतावयर जन्म घेवनुं सकयल संसारांतु वाट मेळिले दिशेन वट काडत सागराचे दिशेन प्रवाहित जायत आसता ते तरेन चेतना, ऊर्जा विभक्त जालिले साधक परमात्माले अविभक्त अस्तित्वांतु सभक्त जवचाक अपरयत्न करत आसताचि तांक चेतना, ऊर्जा प्रसाद रूपान प्राप्त करनुं दीत आसता. ते प्रवाहांतु जे तरेन उदकावयर बुडबुडे उठताचि किंवा सागरा वयर जे तरेन तरंग निर्माण जालिले दिसताचि ते तरेन संसारंतु जीवांचो जन्म मरणाचे बुडबुडे, तरंग निर्माण जाताचि नाश जावचें दिसून येता. जे तरेन उत्तुंग पर्वता पासून विभक्त जालिलि नदि परत पावसाचे रूपान पर्वताले कुशींतु आसचें, विशाल आश्वत्था पासून जन्माक आयिलें बींय परत आस्वत्थ जावचें स्वप्न पळयता, ते तरेन स्रिश्टींतु व्याकृत जालिलि प्रत्येक वस्तु–पदार्थ, जेव–जंतु, जन–जनांवर परत अव्याकृत अस्तित्वांतु समावेश जावचें, नाम–रूपान व्याकृत जालिले जीवात्मान परमात्मांतु परत एकरूप जावचें स्वप्न पळयता.

जेन्नां परमात्माले अव्याकृत सत्–स्वरूप व्याकृत जालें तेन्नां परमात्माले अवर्णनीय प्रेम आनि सौहार्द सुद्धा व्याकृत जावनुं पसरलें. देकून खंयचोयी मार्ग स्वीकारल्यारियी मनुष्यालें स्थूल अस्तित्वाचे मागशीं आशिल्ले तागेलें सूक्श्म दिव्य तत्व द्रिश्टीक पडतालें. प्रेम सत्य स्वरूप, निराकार ब्रह्मस्वरूप आसता, प्रगट जालिल्यान आकार प्राप्त जाता, स्पंदन जालिल्यान अनुभवचांतु येता. त्याग प्रेमाचे लक्षण आशिल्यान प्रेम करतालो मनुष्य त्यागी आसून विषयां पासून दूर आसता – ‘‘नरत्वं देवतवं नागवानमृगत्वं मश्कटा पशुत्वं कीटवं भवतु विहगत्वादिजननम् । सदा त्वत् पादाब्जस्मरणपरमानंदलहरि विहाराशक्तं चेद् हृदयं इह किं तेन वपुसा ॥’’ म्हण्णुं भागवत पुराणांतु सांगल्यां.

मनुष्यान परमात्मालें स्मरण जर नित्य निरंतर करचाक जाय तर संसारांतलिं विंगड कर्मं करचें कशें साध्य जातालें ? शास्त्र सांगता किं अध्यात्माचो प्रवास करचे मनुष्याक घर–दार, आप्तजन–संसाराचो त्याग करनुं दूर अरण्यांतु निवास करचें आवश्यक ना. स्वामि समर्थ रामदास म्हणताचि – ‘‘सदा स्वरूपसंधान । हें मुख्य साधूचे लक्षण । जनीं असोन आपण । जनावेगळा ॥ स्वरूपी दृश्टि पडता । तुटोनि गेलि संसारचिंता । पुढे लागलिं ममता । निरूपणाचि ॥’’ (दासबोध).

वेद संहितेंतले ऋचा आनि ऋचेंतलो अभ्यास करनुं केवल शब्दार्थ समजचे जन अनेक आसताचि, पुण वेद ऋचेंतल्यान निदर्शन जावचो अक्षर परबह्म अनुभवनुं अंतिम लक्ष्य जें अक्षर परब्रह्म प्राप्त करचें आसता तें योग्य तरेन योगसाधना करचे जन थोडेचि आसताचि. ज्ञान–विज्ञान प्राप्त करनुं भोंवया मदें द्रिश्टी स्थिर, मन आनि इंद्रियां वयर संयम, प्राणायम, धारणा इत्यादि यम–नियमांचे माध्यमांतल्यान चेतना सृजन जालिलो भक्त दिव्य पुरुष परमात्मालें सत् दर्शन प्राप्त करता. कृष्ण म्हणता किं मनुष्यान जर ताणें जीवनांतु करचे कर्म यज्ञकर्म म्हण्णुं ‘अभ्यासयोगयुक्तेन’ करनुं तें परमात्माक समर्पण केलें तर वेगळें कांयिंयी करचे पडचें ना. परमात्मालें

अविभक्त स्वरूपांतु संलग्न जालिल्यान भूत, भव्य, भविष्य काळ जो जाणता तो साधकाक खंयियी वच्चें पडना, कायिंयी करचें पडना, कांयियी साधचें पडना कारण तेंचि आसता मोक्ष, तेंचि आसता वैकुंठ. भक्त निर्भय आशिल्यान जें मेळिल्यान ताका हर्ष नां, जें मेळिले नाशिल्यान ताका दु:ख ना. निर्विषय, निरासक्त, निर्भय आशिल्लो साधकाक सनातन, अनादि, अव्यक्त, अक्षर, अचिंत्यरूप, सूक्ष्मा पेक्षां सूक्ष्म, सूर्यालो प्रकाशमय, तेजस्वरूप, परम पवित्र, सर्वांलो नियामक, सर्वांलो धारण–पोषक, ज्ञान–अज्ञानाचे पेलतडेन आशिल्लें परमात्मालें सान्निध्य, परम गति, परम धाम नि:संशय प्राप्त करता – ''कविं पुराणं अनुशासितारं अणोरणीयांसमनुस्मरेद्य: । सर्वस्य धातां अचिंत्यरूपं आदित्यवर्णं तमस: परस्तात् ॥ प्रयाणकाले मनसाऽचलेन भक्त्या युक्तो योगबलेन चैव । भृवोरमध्ये प्राणमावेश्य सम्यक् स तं परं पुरुषमुपैति दिव्यम् ॥''.

'मनसाऽचलेन' मन अस्थिर जावचाक दीनासताना, 'भक्त्यायुक्तो योगबलेन' म्हळयार भक्ती साधनेचे अनेकप्रकार प्रत्ययेंतु हाडनुं मन परमात्मा बरोबर जोडचें. ''नाना वृत्तियोमें जो डूबता । वह जब आत्मको वरता । तब तन रहता वा न रहता । स्मरता कौन ॥ सरिता–प्रवाहके जो साथ । सागरसे मिलता सतत । वह जल देखता क्या बात । पीछे होता है क्या ॥ जैसे वह समुद्र बन जाता । जैसे चितका चैतन्य हो जाता । वहां जन्म–मरण ही मिटता । जो है घनानंद ॥'' (ज्ञानेश्वर).

कृष्ण आतां ''यदक्षरं वेदविदो वदंति विशंति यद्यतयो वीतरागा: । यदिच्छंतो ब्रह्मचर्यं चरंति तत्ते पदं संग्रहेण प्रवक्ष्ये ॥'' म्हण्णुं सांगून पयले प्रथम 'तद् अक्षरम्' म्हळयरा वर्णमालेंतलो चिन्ह न्हंय तर जें केन्नांयि क्षर, क्षीण, नाश जाय नासताना आसचो अनाहत नाद, द्वनि, ओंकार आसता. ओंकाराक सुरवात ना, अंत ना. स्रिश्टि निर्माण जावचे पयलें पासून श्रीमन्नारायणालें हृदयांतु आसून तो स्रिश्टि रूपान अभिव्यक्त जावनुं स्रिश्टि विनाश जाले किं श्रीमन् नारायणालें हृदयांतु गुंजन जायत परत प्रस्थापित जावचो अनाहत नादब्रह्म, परमात्मालो भाव आसता. ओंकराचें अवतरण खंयचे तरेन आनि खंयचे रूपान जाता तें सांगचे कठीण आसता. देकून मांडूक्य उपनिषदांतु ओंकारचि व्याख्या ''ओं इत्येतदक्षरमिदं सर्वं तस्योपख्यानं भूतं भवद् भविष्यदिति सर्वमोंकार एव । यच्चान्यात्त्रिकालातीतं तदाप्योंकार एव ॥'' म्हण्णुं करचांतु आयल्या.

ओं हें एकमात्र मूळ अक्षर आसून वर्णाक्षर सर्व विसर्ग इंद्र देवान ओंकाराचें रूप समजचे खातीर केलिले अनेक प्रतिरूप आसाचि – ''रूपं रूपं प्रतिरूपो बभूव तदस्य रूपं प्रतिचक्षणाय ॥''. जेन्नां अनाहत ध्वनीचो निनाद हृदयांतल्यान उत्स्फूर्त जाता तेन्नां बुद्धि आत्माचो भाव शब्दांताल्यान प्रगट जावचाक प्रवृद्ध करता. तेन्नां शरीरांतलि अग्नि वायूक आघात करता आनि प्रेरित जालिलो वायू छातींतु संचार करत कंठाचे विंग–विंगड जाग्या वयर आहत, आघात करत, जाका लागून तोंडांतल्यान वायु भायर पडत वेग–वेगळे स्वर उत्पन्न करता – ''आत्मा बुद्ध्या समेत्यार्थान् मनि युक्ते विवक्षया । मन: कायाग्निमाहंति स प्रेक्ष्यति मारुतम् ॥ मारुस्तूरति चरन् मंद्रं जनयति स्वरम् । सोदीर्णो मूर्धन्यभिहितो वक्त्रमापद्य मारुत: । वर्णान् जनयते तेषां विभाग: पंचधा: स्मृत: ॥''. एक अनाहत नाद विस्तारित जायत पयलें अ, उ आनि म हे तीन प्राथमिक रूपांतु बृहत् ब्रह्मरूपान व्याकृत जावनुं वर्णाक्षराचे गौण आनि शब्दांचे पूर्ण रूपान परिवर्तन जावनुं व∪अक् आयकुवचांतु येता. देकून वेदांतले विज्ञानाक श्रुति म्हण्णुं संबोधन करचांतु येता. अवकाशंतु दरवळचो अनाहत नाद शब्दांतु उच्चारिल्यान अयकुवचांतु आयल्यारियी शब्दांतलो अक्षर – ओंकार विरघळून वचना, तो परत प्रत्यक्षांतु हाडचें साध्य आसता. जेन्नां मन मौनावस्थेंतु आसता तेन्नां भितर हृदयांतु केवल अंतरनाद, अक्षर, नादब्रह्म, ओंकार प्रतिध्वनित, धुमधुमत, घुमघुमत आसता.

ओंकाराचें विशय कुतूहल निर्माण जालिल्यान अनासक्त जालिले यती निरिच्छा, निर्विशय जावनुं – 'यद्यतयो वीतरागा:' ब्रह्मचर्य, ज्ञान–विज्ञान आचरणेंतु हाडताचि – 'ब्रह्मचर्यं चरंति'. ओंकार परम पवित्र आसून ओंकाराचें अक्षर ब्रह्माचे ज्ञान–विज्ञान नचिकेताक पयलें यम धर्मरायाना कडचान – ''सर्वे वेसा यत्पदमामनंति तपांसि सर्वाणि च यद्वदंति । यदिच्छंतो ब्रह्मचर्यं चरंति तत्ते पदं संग्रहेण बवीम्योमित्येतत् ॥'' म्हण्णु आश्वासन

दीवनुं ओंकाराचें वर्णन ''एतद्ध्येचाक्षरं ब्रह्म एयद्ध्येवाक्षरं परम् । एतद्ध्येवाक्षरं ज्ञात्वा यो यदिच्छंति तस्त तत् ॥ एतदालंबनं श्रेष्ठमेतदालंबनं परम् । एतदालंबनं ज्ञात्वा ब्रह्मलोके महीयते ॥'' म्हण्णुं केलें. कठ उपनिषदांतु सांगल्या किं हें ज्ञा–विज्ञान प्राप्त केलिल्यान नचिकेतान ब्रह्मपद प्राप्त करनुं काम आनि मरणा पासून मुक्त जालो – ''मृत्युप्रोक्तां नचिकेतोऽथ लब्ध्वा विद्यामेतां योगविधिं च कृत्स्नम् । ब्रह्म प्राप्तो विरजोऽभूद्विमृत्युरन्योप्येव यो विदध्यात्ममेव ॥'' अनि तेचि तरेन अन्य जन सुद्धां मुक्त जावू शकताले.

देकून कृष्ण आतां परमात्मालें लक्ष्य, परम परमोच्च अव्यय अक्षर प्राप्त करचि विधि विस्तारान दाखयता – 'तत्ते पदं संग्रहेण प्रवक्ष्ये' संक्षेपान सांगत आसा. जर मन शुद्ध आनि अंत:करण पवित्र आसल्यार प्रतिबिंब रूपान आशिल्लो वर्णाक्षरांतल्यान परमात्मालें बिंब स्पश्ट दिसतालें. मनुष्यालि धारणा अंतरमनांतु उत्सृज्य जाले शिवाय जे तरेन ओंकाराचो भाव समज ना ते तरेन ओंकाराचो भाव समजले शिवाय ओंकाराचि व्याख्या शब्दान केलिलें स्मजचें ना.

जेन्नां 'ब्रह्मचर्यं चरंति' म्हणचांतु येता तेन्नां साधक निरिच्छा, निर्विशय जावनुं तन–मनान परमात्माले विशय श्रवण, स्मरण, चिंतन, मनन केलिलें ज्ञान–विज्ञान आचरणेंतु हाडता. पुण सर्व साधारण जनांलें मन भायरचे वस्तूंचे आकर्षणान प्रभावित जायत आशिल्यान कामवासना भौतिक सुखा खातिर वापरचांतु येता. पुण ज्ञानी भक्त जन इंद्रियांचे पेलतडेन आसचे परमानंदान आकर्शित जावनुं कामवासना अध्यात्मिक सुखा खातिर वापरताचि. कृष्ण सांगता किं मनुष्यान संसार आनि इंद्रियांपासून दूर धांवचें व्यर्थ आसता. कारण मनुष्य ऐक स्थळा पासून दूर वचू शकता, इंद्रियां पासून दूर आसूं शकना. खंयचे दिशेन धांवल्यारियी इंद्रियांक घेवनु वच्चें पडता, देकून इंद्रियांपासून दूर वच्चें आवश्यक ना, जे अपेक्षित आसता तें इंद्रियांपासून निर्माण जावचे आकर्षणान दूर आशचें. जेन्नां इंद्रियांचि प्रवृत्ति अध्यात्माचे दिशेन प्रवृत्त केल्यार काम जीवात्मालें आनि परमात्मालें अध्यात्मिक मिलन साधचें साधन जावू शक्ता. सर्व साधारण जनांलें मन भायरचे वस्तूंचे आकर्षणान प्रभावित जायत आशिल्यान कामवासना भौतिक सुखा खातिर वापरचांतु येता. पुण ज्ञानी भक्त जन इंद्रियांचे पेलतडेन आसचे परमानंदान आकर्शित जावनुं कामवासना अध्यात्मिक सुखा खातिर वापरताचि. कृष्ण सांगता किं मनुष्यान संसार आनि इंद्रियांपासून दूर धांवचें व्यर्थ आसता. कारण मनुष्य ऐक स्थळा पासून दूर वचू शकता, इंद्रियां पासून दूर आसूं शकना. खंयचे दिशेन धांवल्यारियी इंद्रियांक घेवनु वच्चें पडता, देकून इंद्रियांपासून दूर वच्चें आवश्यक ना, जे अपेक्षित आसता तें इंद्रियांपासून निर्माण जावचे आकर्षणान दूर आशचें. जेन्नां इंद्रियांचि प्रवृत्ति अध्यात्माचे दिशेन प्रवृत्त केल्यार काम जीवात्मालें आनि परमात्मालें अध्यात्मिक मिलन साधचें साधन जावू शक्ता. जर मानुष्याक तन–मन बदलचें ना, निर्विशय जावनुं ब्रह्मचर्य, ज्ञान–विज्ञान आचरणेंतु हाडचें ना तर संन्यासाचो कसलो प्रयोजन ?

देकून क्रष्ण सांगता – ''सर्वद्वाराणि संयम्य मनो हृदि निरुध्य च । मूर्धन्यधयात्मन: प्राणमास्थितो योगधारणम् ॥ ओमित्येकाक्षरं ब्रह्म व्याहरन् मामनुस्मरन् । य: प्रयाति त्यजन् देहं स याति परमा गतीम् ॥''. ''सर्वद्वाराणि संयम्य'' हे विधानाचे स्पश्टीकरण ज्ञानाचे पंचेंद्रिया सयत मनावयर संयम आनि बुद्धि सुद्धां अविचल जालिल्यान योग संभवता म्हण्णुं कठ उपनिषदांतु सांगाल्यां – ''यदा पंचवतिष्ठंते ज्ञानानि मनसा सह । बुद्धिश्च न विचेष्टति तामाहु: परमां गति: ॥ तां योगमिति मन्यंते स्थिरामिंद्धियधारनम् । अप्रमत्तस्तदा भवति योगो हि प्रभवाप्ययौ ॥''.

परमात्माले अविभक्त अस्तित्वांतु सभकत जावचे योग साधनेंतु साधकाक इंद्रियां वयर संयम, मना वयर नियंत्रण, श्वास आनि द्रिश्टि भोवयां मदें स्थिर करनुं ओंकार उच्छारनुं परमात्मलें स्मरण, ध्यान–धारणा केल्यार आकाशा तरेन अंतर्बाह्य स्वच्छ, अखंडानंदस्वरूप, अप्रमेय इंद्रियातीत, काम–रागादि दोश नासताना, शमदमादि गुणांन परिपूर्ण, मात्सर्य, तृष्णा, मोह, दंभ, अहंकार, अभिमान नासताना तो अव्याकृत, अद्वैत, निर्विकल्प, अनंत, अविनाशी, अवर्ण परमात्माले रूपमैशवर्य हाताचे तळव्यावयर आमलक फ़ल दिसले तरेन अपरोक्ष साक्शात्कार

जतालो म्हण्णुं वाज्तसूचीका उपनिषदांतु सांगिल्लें आसा. साधक जेन्नां स्वत:चि चेतना परमात्माले चैतन्या बरोबर जोडता तेन्नां ते प्रक्रियेक भक्ति आनि ते साधकाक भक्त म्हण्णचांतु येता.

ध्यान म्हळयरा असले क्षणिक आनि नाशिवंत विचारां वयर समय वायट करत नासताना सनातन अविनाशी परमात्म तत्वा वयार नित्य, निरंतर श्रवण, स्मरण, चिंतन, मनन करचें आसता. ध्यानाचे दोन पैलु आसताचि समथा आनि विपासना. समथा म्हळयार मन निर्विचार करचें न्हंय तर मनांतु प्राकृतिक स्वभावाक लागून येवचे विचार जे तरेन उदका वयर बुडबुडे येताचि ते तरेन क्षणिक आसताचि म्हण्णुं समजून मन क्षणिक आनि नाशिवंत विचारां वयर समय वायट करत नासताना, विचारांतु संलग्न जाय नासताना मन निर्विकार, निर्विशय, निरुद्देश्य करनुं मन शांत, समत्व, समभावम् स्वस्थ दवरनुं सनातन अविनाशी परमात्म तत्वा वयार नित्य, निरंतर श्रवण, स्मरण, चिंतन, मनन करचें आसता. इपासना म्हळयार जे विचार मनांतु येताचि ते क्षणिक आनि नाशिवंत आसताचि म्हण्णुं माननुं मान्य करनुं तांगेले आगमन आनि निर्गमन शांत, स्वस्थ बसून प्रभावित जाय नासताना निरीक्षण करचें आसता. समथा आनि विपासना साधचाक अनेक मार्ग आसताचि, देकून मार्ग न्हंय तर लक्ष्य महत्वाचें आसता. देकून खंयचोयि मार्ग चलनुं खंयचेयि तरेन केल्यारियी समथा आनि विपासना दोन विभक्त जालिले अस्तित्वांक अभ्यासान आनि अविरत प्रयासान सभक्त करचें साधन आसताचि.

समथा आनि विपासना साधचाक अनेक मार्ग आसताचि, देकून मार्ग न्हंय तर लक्ष्य महत्वाचें आसता. देकून खंयचोयि मार्ग चलनुं खंयचेयि तरेन केल्यारियी समथा आनि विपासना दोन विभक्त जालिले अस्तित्वांक अभ्यासान आनि अविरत प्रयासान सभक्त करचें साधन आसताचि. साधक जेन्नां स्वत:चि चेतना परमात्माले चैतन्या बरोबर जोडता तेन्नां ते प्रक्रियेक भक्ति आनि ते साधकाक भक्त म्हण्णचांतु येता.

हे तरेन जो परमात्मालें नित्य निरंतर श्रवण, स्मरण, चिंतन, ध्यान, धारणा करता तो आखेरिक परमात्माक प्राप्त करता – ''अनन्यचेता: सततं यो मां स्मरति नित्यश: । तस्याहं सुलभ: पार्थ नित्ययौक्तस्य योगिन: ॥''. 'अनन्य चेतसा' म्हळयार पूर्ण संवेदनेन श्रवण, स्मरण, चिंतन ध्यान करचें, जाका लागून जें कांय स्रिश्टींतु चारी दिकान पसरिले दिसता तें सर्व नित्य, निरंतर, शाश्वत, निराकार सनातन अव्याकृत अस्तित्वाचें व्याकृत स्वरूप सर्व जीव जीवांतु, जन जनावरांतु, वन वनस्पतींतु, नदींतु, पर्वतांतु वास्तव्य करनुं आसा आनि ताजे व्यतिरिक्त स्रीश्टींतु अन्य, विंगड कांयि ना म्हण्णुं साक्षात्कार जाता. भागवत पुराणांतु सांगिल्ले तरेन अनन्य म्हळयार परमात्मा शिवाय अन्य कोंणा विशय श्रवण, स्मरण, मन, चिंतन, ध्यान करचें, जे तरेन कोळीले जाळेंतु फ़सलेलो कीडो भयान कोळीलें रूपचि घेता – ''कीट: पेशकृता रुद्ध: कुड्यायां तमनिस्मरन् । संरंभभययोगेन विंदते तत्सरूपताम् ॥''. अनन्य भक्तीचे णव प्रकार नमूद करचांतु येतचि –''श्रवणं कीर्तनं विष्णो: स्मरणं पादसेवनम् । अर्चनं वंदनं दास्यं सख्यं आत्मनिवेदनम् ॥ इति पुंसार्पिता विष्णौ भक्तिश्चेन्नवलक्षणा । क्रियते भगवत्यधा तन्मयेऽधीतमुत्तमम् ॥''. थोडे अतिशयोक्तीन नित्य निरंतर स्मरणाचे महत्व सांगचांतु येता किं वैरवृत्तीन वा भक्तीन, भय, प्रेम वा स्नेहान परमात्मा विशय चिंतन केलिलि भक्ति सुद्धां फ़लदायक आसता इतलेंचि न्हंय तर वैरवृतीन परमात्माले केलिलें श्रवण, स्मरण जास्त प्रभावित आसता म्हण्णुं कृष्णालें मत आसता – ''तस्माद्वैरानुबंधेन निर्वैरेण भयेन वा । स्नेहात्कामेन वा युंज्यात् कथश्चिन्नेक्षते पृथक् ॥ यथा वैरानुबंधेन मर्त्यस्तन्मयताभियात् । न तथा भक्तियोगेन इति मे निश्चिता मति: ॥''.

योग म्हळयार जोडचें – योग शास्त्र विभक्त जालिले जीवात्मांक परमात्मा अविभक्त अस्तिर्वांतु जोडनुं लीन जावचि कला शिखयता. हे जर जावचें ना तर पूर्वाश्रमांतु जप, भजन, संकीर्तन करनुं मन शुद्ध आनि अंत:करण पवित्र करचें व्यर्थ जातालें जर थंय ओंकाराचो परम नादब्रह्म दुमदुमचो ना.कृष्ण म्हणता किं परमात्मा शाश्वत परमानंद स्वरूप आसा म्हण्णुं ज्ञान प्राप्त जाता तेन्नां तो मनुष्य जन्मांतले क्षणिक, क्षणभंगुर, अशाश्वत सुखाचि आशा, आकांक्षा, कामना करचो ना – ''मामुपेत्य पुनर्जन्म दु:खालयमशाश्वतम् । नाप्नुवंति

महात्मनः संसिद्धिं परमां गताः ॥''. ताका परमापद प्राप्त जालिल्याअ तो परत इहलोकांतु येवचो ना – ''आब्रह्मभुवनाल्लोकाः पुनरावर्तिनोऽर्जुन । मामुपेत्य तु कौंतेय पुनर्जन्म न विद्यते ॥''.

ज्ञानई जन स्रिश्टि सृजन आनि विसर्जन जावचे प्रक्रिये विषय उअल्यताना अव्याकृत अस्तित्व स्रिश्टिरूपान व्याकृत जावचे आनि स्रिश्टिरूपान व्याकृत जालिलें अव्याकृत अस्तित्वांतु परत विलीन जावचे प्रत्येक प्रक्रियेक ब्रह्म प्रजापतीलें सहस्र युगांचो दिवस आनि सहस्र युगांचे रात्रीचि उपमा दिलिलि आसा – ''सहस्रयुगपर्यंतमहर्यद् ब्रह्मणो विदुः । रात्रिं युगसहस्रांतां तेऽहोरात्रविदो जनाः ॥''. जेन्नां ब्रह्म प्रजापतीलो दिवस उजाडता तेन्नां अव्याकृत अस्तित्व नाम–रूपान व्याकृत जाता आनि जेन्नां ब्रह्म प्रजापतीलो रात्रीचि समय येता तेन्नां नाम–रूपान व्याकृत जालिलि स्रिश्टि परत अव्याकृत अस्तित्वांतु विलीन जाता. हे काळचक्राक लागून असहाय्यतेन ब्रह्म प्रजापतीलो दिवस उजाडलो किं अव्याकृत अस्तित्व परत परत नाम–रूपान व्याकृत जाता आनि नाम–रूपान व्याकृत जालिलें अव्याकृत अस्तित्वांतु परत परत विलीन जाता – ''अव्यक्ताद्व्यक्तयः सर्वाः प्रभवन्त्यहरागमे । रात्र्यागमे प्रलीयंते तत्रैवाव्यक्तसंज्न्यके ॥ भूतग्रामः स ऐवायं भूत्वा भुत्वा प्रलीयते । रात्र्यागमेऽवशः पार्थ प्रभवत्यहरागमे ॥''.

अव्याकृत–व्याकृत, अव्यक्त–व्यक्त, रात्र–दिवस, काळोख–प्रकाश हे तरेन बदलचे, रूपांतर, परिवर्तन परत परत जावचे प्रत्येक प्रक्रिया पोळोवनुं सहस्र युगांचे अवधीचें संसार–चक्र म्हण्णुं उपमा दिलिलि आसाअ. व्याकृत जालिले स्रिश्टींतु एकमेक घटाकां बरोबर संबंध बांदचांतु येवनुं संसारांतलो व्यवहार सुरु जाता. ब्रह्म प्रजापतीले दिवस रात्रीचो समय सहस्र युगांचि तुलना करतान एक निश्चित समय म्हण्णुं न्हंय तर कल्पनातीत काळ, अवकाश म्हण्णुं समजचाक जाय. एक पतंगाक तागेलो जन्म एक दिवसाचो आसता, मनुष्याक जन्म शंबर वर्साचो आसता. पुण ब्रह्म प्रजापतीलो जन्म पतंग आनि मनुष्याले क्षणिक, सीमित जन्माचे तुलनेन अनंत आसल्यारियी सुरवात–अंत, जन–मरण नाशिल्ले परम सत्य, अस्तित्वाचे तुलनेन ब्रह्म प्रजापतीलो कार्य काळ नाम–रूपान व्याकृत जालिले पसून स्रिश्टि आनि शक्तिरूपान व्याकृत जालिले सर्व देव देवता परत परम सत्य, अस्तित्वांतु विसर्जन प्रळय जाय पर्यंत सीमित आसता – ''ततस्तं मारुतं घोरं स्वयंभूऐमनुजाधिप । आदिः पद्मालयो देवः पीत्वा स्वपीति भारत ॥'' आनि ब्रह्म प्रजापतीलो कार्य काळ तेन्नांचि परत सुरु जाता जेन्नां परमात्माले संकल्पाक लागून तो जागो जावनुं स्रिस्टी निर्मितीचे कार्य सुरवात करता – ''ततो विबुद्धे तस्मिंस्तु सर्वालोकपितामहे । एकीभूतो हि स्रक्ष्यामि शरीराणि द्विजोत्तम ॥'' म्हण्णुं महभारतांतु सांगिल्लें आसा..

वास्तवांतु ब्रह्मांडांतु जन्माक आयिले प्रत्येक जीव संसार चक्रारंतल्यान परत परत प्रवास करत आसताना रात्र–दिवस, काळोक–प्रकाश, अज्ञान–ज्ञानाचे अंश मात्र द्वंद्वांतल्यान वचत आसताचि. देकून म्हणचांतु येता जे तरेन जागे आशिल्ले मनुष्याक निदेंतु पळयिले सर्व स्वप्नवत् आसता, ते तरेन रात्र, काळोक, अज्ञानांतल्यान जागे जालिले मनुष्याक भौतिक जीवन हें एक प्रदीर्घ स्वप्नांतल्यान दिवस, प्रकाश, ज्ञानाचे शक्तीन अध्यात्मिक पातळीवयर बदलचे, परिवर्तन, रूपांतरित जावचें सहज साध्य आसतालें.

ध्यानांतु आसचाक जाय किं सृजन आनि विसर्जन, परत निर्माण परत प्रळय हे तरेन जावचे नाम–रूपान व्याकृत जालिले स्रिश्टीचे पेलतडेन असलें ऐक अलौकिक, श्रेष्थ अव्याकृत सनातन परम तत्व, अस्तित्व आसता जें सर्व अन्य अस्तित्व नाश जाल्यारियी नाश जायना – ''परमास्तात्तु भावोऽन्योव्यक्तोऽव्यक्तात्सनातनः । यः स सर्वेषु भूतेषु नश्यस्तु न विनश्यति ॥''. तें परम तत्वाव्याकृत, अव्यक्त, अक्षर, अक्षय, अव्यय, सनातन, परम अस्तित्व, परम गति, परम पद आसून तें प्राप्त केलिल्यान मनुष्य परत कनाम घेवचो ना – ''अव्यकोक्शर इत्युक्रस्तमाहुः परमा गतिः । यं प्राप्य न निवर्तंते तद्धाम परमं मम ॥''.

जे क्षण ब्रह्म प्रजापतीले हे काळचक्राचे गूढ रहस्य आत्मसात् जाता ते क्षणांतु ज्ञान–विज्ञानाचि पयलिं किरणं दिसून मनुष्यांतु, स्रीश्टींतले प्रत्येक कण–कणांतु बदल, परिवर्तन, रूपांतरित जावचें हें सर्व दृश्यमात्र स्रिश्टींतु घडत आसता म्हण्णुं समजचांतु येवनुं अदृश्य अध्यात्मिक पातळीवयर सुद्धां केवल परमात्माक लागून

जन्म–मरणाचो चक्राचो पेलतडेन कालबाह्य, कालातीत अवस्थेचे रूपान स्वाभाविक आनि सहज मान्य आसता. देकून ते क्षणाक ब्रह्ममुहूर्त म्हण्णुं संबोधन करचांतु येता. वास्तविक अव्याकृत परमात्मालो असीम विस्तार जितलो अनंत आसता तितलो तो व्याकृत जालिलो सीमित स्रीश्टींतु जाणवना. तरियी व्याकृत जालिले अशाश्वत सीमित प्रकृतींतु शाश्वत परमात्मालें असीमित अव्याकृत अस्तित्व, अनित्यांतु नित्य पोळोवचि इच्छा, आशा–कामना मनुष्य करता. पुण ही इच्छा, आशा–कामना मनुष्याले भौतिक माध्यमांतल्यान पूर्ण कशें जातालि? कृष्ण म्हणता किं शाश्वत परमात्मालें असीमित अव्याकृत अस्तित्व ती इच्छा, आशा–कामना मनांतल्याना विसर्जन केलिल्यान अध्यात्मिक माध्यमांतल्यान पूर्ण जाता, जाका लागून ज्ञान–विज्ञानान संपन्न जालिलो मनुष्य जीवनांतले सर्व संशया पासून मुक्त जालिलो ज्ञानी म्हण्णुं घेवचाक सक्षम जाता.

जीवानाचे अत्युच्चा सुख समाधान प्राप्त करचे प्रक्रियेंतु पाश्चात्य आनि पूर्व देशांतले विचार शैलींतु मूळभूत फ़रक तणी हो अंतिम लक्ष्य प्राप्त करचाक उपयोजनेंतु हाडचो अंतर–बाह्य मार्गां वयर अभिप्रेत जालिलो आसा. पाश्चात्य देश मनुष्याले सुख–दु:खाचे कारण तागेले भायरचे परिस्थिती आनि वातावरणांतु शोधता. भायरचि परिस्थिती आनि वातावरण बदलल्यार जीवन सुख समाधानकारक जाता म्हण्णुं समजून पाश्चात्य संस्कृतीचें लक्ष्य हजारो वर्सं पासून भौतिक पातळीवयर जास्तन् जास्त कौशल्य, सुविधा, सुख समाधान प्राप्त करनुं दिवनुं तागेले शारीरिक जीवन समृद्ध करचाक धडपडता. पुण भायल्यान भौतिक पातळीवयर शारीरिक सुविधा, सुख समाधान प्राप्त करनुं दिलिल्यान भितरलें मन, अंत:करण, चैतन्य सुखावतालें हे निश्चित ना. कारण भौतिक पातळीवयर शारीरिक सुविधा, सुख समाधान भितरलें मन, अंत:करण, चैतन्याक अनुकूल नासल्यार ते क्षणिक आनि नाशिवंत आशिल्यान दु:खाक कारणी भुत जावू शकतचि.

ताजे विपरीत पूर्वदेशांतलि संस्कृति मनुष्याले सुख–दु:खाचे कारण तागेले भितर मन आनि अंत:करण सुस्थितींतु आसचांतु शोधता. कारण भितरलें मन, अंत:करण, चैतन्य अनुकूल आसलायर ताजो प्रभाव मनुष्याले भायले कर्म, परिस्थिती आनि वातावरण बदलनुं जीवन सुख समाधानकारक जावचें निश्छित आसता म्हण्णुं तागेलि धारणा आसता. देकून पौरात्य संस्कृतीचें लक्ष्य भौतिक पातळीवयलि परिस्थिती आनि वातावरण, कौशल्य, सुविधा सुधारचे पेक्षां भितरलें मन, अंत:करण शुद्ध, पवित्र, समृद्ध दवरनू अध्यात्मिक पातळीवयर चैतन्य जास्तन् जास्त सृजन आनि सक्षम जावचक अवखश दिता, जाका लागून मनुष्यालें जीवन इंद्रियांन आसक्त जायनासताना परमात्माले परमगतीचे दिशेन प्रवास करनुं आपण्याले विभक्त जालिलें जीवन सभक्तीन सर्व विश्व आनि सर्व भूतजातींक वापून परमात्माले अविभक्त सर्वव्यापी अस्तित्वांतु प्रवेश सरळ, सुलभ प्राप्त जातालो – ''पुरुष: स पर: पार्थ भक्त्या लभ्यस्त्वनन्यथा । यस्यांत:स्थानि भूतानि येन सर्वमिदं ततम् ॥''.

किंभुना कठोपनिषदांतु – ''क्षूरस्य धारा निशिता दुरत्यया दुर्गम्पथस्तत्कवयो वदंति ।'' म्हण्णुं पूर्व काळांतले ऋशीमुनींनि अध्यत्माचो मार्ग दुर्गम आनि चलचाक कठीण म्हण्णुं सांगिल्यान, जे तरेन सूर्यालो प्रकाश घरांतल्यान भायर आयले शिवाय दिसचो ना, सूर्यालें दर्शन घेवचें आसल्यार मनुष्याक पयलें घराचे भायर येवचें आवश्यक आसता, भायर प्रकाशंतु पयलें सूर्याले स्थूल गोलक पळयिल्यार सूर्याले भितर आशिल्लें तागेले सूक्ष्म रूपामैश्वर्य अनुभवचें शक्य जातालें, ते तरेन मार्गा वयरचे प्रत्येक कठीण प्रसंग पार करचें आसता, परमात्मालें स्रिश्टिरूपान व्याकृत जालिले प्रत्येक घतकांचे निरीक्षण करनुं ते सर्वांतु आशिल्ले सूक्ष्म परमात्मातत्व जाणचाक जाय.

कृष्ण संसारचि ओळख जन्म, मरण आनि पुनर्जन्म हे त्रिकूटांतल्यान करनुं दीना तर प्रकाश, काळोख, ज्ञान, अज्ञानाचे परस्पर संबंधाक लागून निर्भर आसता म्हण्णुं करनुं दिता. जे तरेन नाम–रूपान व्याकृत जालिलें अस्तित्व इंद्रियांक लागून उपलब्ध आसता म्हण्णुं सनातन, अविनाशी, अव्यय, अक्षर, अव्याकृत अस्तित्व अमान्य जायना, जे तरेन अव्याकृत अस्तित्व मान्य जालिल्यान नाम–रूपान व्याकृत जालिलें अस्तित्व स्वप्नवत्, मायिक,

क्षणिक, नाशवंत म्हण्णुं नाकारचांतु येवचें ना. कारण जें तरेन काळोख, अज्ञान, आनि मरण मनुष्यांक प्रत्यक्षिक अनुभव आसत ते तरेन प्रकाश, ज्ञान आनि पुनर्जन्माचो अनुभव आसता.

देकून पयलें भौतिक पातळीवयले जें सर्व ज्ञात आसता ते आधारावयर सर्व संशयांचो स्पश्टीकरण दीवनुं आतां कृष्ण जे योगी जन हो संसारम्तल्यान गेले नंतर परत जन्माक येनांचि पुण जे जन संसारम्तल्यान गेले नंतर परत जन्माक येतचि ते विश्यत सांगता – ''यत्र काले त्वनावृत्तिमावृत्तिं चैव योगिनः । प्रयाता यांति तं कालं वक्ष्यामि भरतर्षभ ॥''. 'यत्र काले' म्हळयार हे संसारांतल्यान शरीर त्याग करनुं जे योगि जन परत येनांचि तो काळ–समय आनि जे अन्य जन संसारांतल्यान शरीर त्याग करनुं परत येताचि ते काळ–समयाचे विशय आसता. परमात्माले प्राप्ती खातिर मनुष्याक योग्य काळ–समय अपेक्षित आसल्यारियी तो काळ–समय मनुष्याले भूत काळांतले विचार, आचार, संस्कारा वयर निर्भर आसता, हें ध्यानांतु आसचेइ अवश्यकता आसता. कारण भूत काळ जितलो महत्वाचो आसता तोतलोचि म्नहत्वाचो भविष्य काळ आनि क्षण निर्णायक जाता. मनुष्य रूपान संसारांतु जन्माक येवचो काळ आनि मरण येवचो समय मनुष्याले नियंत्रणेंतु ना. पुण अध्यात्माचे प्रवासांतु प्रत्येक क्षण महत्वाचो आसता, कारण दर एक क्षण कांयि तरी, खंय तरि निश्चित घडत आसता आनि घडचें अपेक्षित आसल्यारियी तो क्षण मनुष्याक अज्ञात आसता. शास्त्र सांगता किं जें घडता तें प्रत्येकाले कर्मानुसार घडत आसता. जन्म आनि मरण कर्मानुसार आसून अज्ञात आसता. देकून जे मनुषालि धारणा भौतिक पातळीवयर धृढ आसता ताका जन नास्ल्यारियी मरण दर दिवस, दर क्षण नित्य निरंतर अनुभवचे क्षण आसता. परमात्माले स्रिश्टीचे संरक्षण, विकास, अभिवृद्धि आनि विनाशाक जितलि ज्ञानाचि, प्रकाशाचि, जन्माचि अवश्यकता आसता तितलीचि अज्ञानाचि, काळोखाचि आनि मरणाचि अवश्यकता आसता. संसार म्हळयार प्रकाश आनि काळोख, ज्ञान आनि अज्ञान, जन्म आनि मरणांतलो एक संदर्भ, एक प्रसंग, अंतराळांतलो एक अवकाश आसता, जे अंतरांतांतु मनुष्याक जीवात्मा–परमात्माले मदलो संबध बांदून आपण्यालो अध्यात्मिक विकास, अभिवृद्धि, पूर्तता करचि आसता.

आतां कृष्ण म्हणता किं अग्नि, ज्योत, दिवस, शुक्लपक्ष उत्तरायणाचे हे स म्हैन्यांतु जो मनुष्य शरीर त्याग करता तो ज्ञान–विज्ञानान प्रकाशित जालिलो ब्रह्मज्ञानि आसून परमात्मालें परम पद ब्रह्मलोक प्राप्त करता. धुंवर, रात्र आनि कृष्णपक्ष दक्षिणायनाचे हे स म्हैन्यांतु जो मनुष्य शरीर त्याग करता तो अज्ञान, अंधःकारांतु आशिल्यान तो चंद्रलोक प्राप्त करनुं परत हे संसारातु येता. शुक्लपक्ष आनि कृष्णपक्ष हे दोन शाश्वत मार्ग आसताचि म्हण्णुं मानचांतु आयल्यां.

वास्तविक जो मनुष्य इंद्रिय आनि वासनेन प्रभावित जाय नासतान आपण्यालें शरीर, मन आनि वाचा शुद्ध, पवित्र दवरनुं परमात्मालें नाम–स्मरण, मनन–चिंतन, ध्यान–धारणा नित्य निरंतर करता तागेलि मानसिक वृत्ति उर्धगतीचे दिशेन शुक्लपक्षाचे मार्गान प्रवास करचि आसता. जो मनुष्य इंद्रिय आनि वासनेन प्रभावित जायत आपण्यालें शरीर, मन आनि वाचा अशुद्ध, अपवित्र दवरनुं संसारंतु विषयासक्त जावनुं भौतिक पातळीवयर इंद्रियांचो अनुभव घेत आसता तागेलि मानसिक वृत्ति अधोगतीचे दिशेन कृष्णपक्षाचे मार्गान प्रवास करचि आसता. जो मनुष्य संसारांतले हे दोन सनातन मार्ग जाणता तो योगी जावनुं केन्नांयी मोहांतु पडचो ना. देकून कृष्ण अर्जुनाक सांगता – ''तस्मात्सर्वेषु कालेषु योगयुक्तो भवार्जुन ॥''.

मनुष्याक साधारणतः जन्माक आयिले पासून प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाक लागून दक्षिणायनाचो मार्ग चलत आसता. पुण वेद शास्त्रांतले ज्ञान–विज्ञान आनि संस्कार प्राप्त करनुं, यज्ञ, तप, दान धर्म करनुं उत्तरायणाचो मार्ग चलचो मनुष्य योगि जनांनि प्राप्त करनुं परमात्मालें परम पद प्राप्त करताचि – ''वेदेषु यज्ञेषु तपःसु चैव दानेषु यत्पुण्यं प्रदिश्टम् । अत्येतिऔ तत्सर्वमिदं ज्ञात्वा विदित्वा योगी परं स्थान मुपैति चाद्यम्॥''.

कृष्ण शब्दांतलो यथार्थ समजून वेद, यज्ञ, तपस् आनि दान हे शब्द वापरता. वेदज्ञान म्हळयार ऋचांचे शब्द पठन न्हंय तर ते शब्दांतलो यथार्थ, तत्व समजून, जाणून केलिलें यज्ञकर्म, केलिलें यज्ञकर्म तपांतु

परिवर्तन जालिलें जीवन परमात्माक समर्पण आनि लोककल्याणाखतिर केलेले दान म्हण्णुं जीवन जगचें आसता. जेन्नां जीवात्मा परमात्मांतु विलीन जाता तेन्नां भक्त भगवंतांतु सभक्त रूपान आसता, तेन्नां थंय जीवात्मा आसना, भक्त आसना, यज्ञ आसना, तप आसना, दान आसना कसलेंयी कर्म आसना. केवल परमात्मा आसता. हें तत्व जो जाणता तो तत्ववित् आसता. तेन्ना कोण मारता, कोण मरता? किंबहुना मारतालो आनि मरतालो दोग्गंयी परमात्मांतु आसताचि. "यदि पुण्य वेदाध्यनका । तथा बहार यज्ञ–फ़लका । प्राप्त सर्वस्व तप दानका । धनंजय ॥ मिलकर सब पुण्यला खेत । बह्मत्व पकने पर भी पार्थ । ब्रह्मानंदकी तुलनामें व्यर्थ । जो नित्य निर्मल ॥ तुलनामें जो नित्यानंदके । तुलामें डाले तो उपमाके । छोडा नही है उस सुखके । साधना यज्ञादि है ॥ न नासता जो न खूटता । भोगीको सदा तृप्ति देता । भावी सुखका होता । बधिजु वह ॥" (ज्ञानेश्वर).

उपनिषद सांगता किं मनुष्यालें जीवन म्हळयार एक प्रदीर्घ यज्ञकर्म जावनुं आसून ब्रह्मचर्य, गृहस्थ, वानप्रस्थ आनि संन्यास हे तरेन चार आश्रमांतु विभाजन जालिलें आसा. हे यज्ञ समारंभाचे पयले चोवीस वर्स प्रात:सवणाचे आसून, नंतरचे चोव्वेचाळीस वर्स माध्यंदिन सवनाचे आनि बाकीचे अ`चाळीस वर्स तृतीय सवनाचे, एकूण एकशे सोळा वर्षांचे आसता म्हण्णुं मानचांतु येता. जेन्नां मनुष्याले जीवनाचो उत्तरायणाचो काळ सुरवात जाता तेन्नां तो आपण्याले संसाराचे ब्रह्मचर्य आनि गृहस्थाश्रमांतले सर्व कर्तव्य–कर्म पूर्ण करनुं वानप्रथाश्रमांतु प्रवेश करता. उरिले आयुष्यांतु संसारांतले सर्व इच्छा, आशा, आकांक्षा, धन–अश्वर्य सर्वस्वी त्याग करनुं, भूत काळांतले जीवनाचो किंवा भविष्य काळांचे विशय विचार करत नासताना वर्तमान काळाचि उपेक्षा करनुं काळाचि प्रतीक्षा करत चित्त वृत्तीन सामाधान पावता – "अनागतं च न ध्यायेनातीतमनुचिंतयेत् । वर्तमानमुपेक्षेत कालाकांक्षी समाहित: ॥". जो मनुष्य हे तरेन आपण्याले अंतिम क्षण एकांतांतु परमात्मालें धान करत व्यतीत करता तो आकाशांतु संचार करचे वायू तरेन सर्वप्रकाराचि आसक्ति विसर्जन करनुं निर्भय, निराश्रित जावनुं मोक्ष किंवा परमात्माक प्राप्त करता – "एतावदंतवेलायां परिसंख्याय तत्ववित् । ध्यायेदेकांतमास्थ्हय मुच्यतेऽथ निराश्रय: ॥ निर्मुक्त: सर्वसंगेभ्यो: वायुराकाशगो यथा । क्षीणकोशो निरतंकस्तथेदं प्राप्नुयात् परम् ॥".

०००००



# *अध्याय णववो*
# *राजविद्या–राजगुह्ययोग.*

मुंडक उपनिशदांतु विद्येचे दोन प्रकार सांगिल्लो आसाचि – अपरा आनि परा. अपरा म्हळयार ऋग्वेदादि संहिता, शिक्षा, कल्प, व्याकरण, निरुक्त, छंद, ज्योतिष इत्यादि शास्त्रांतलें ज्ञान जे इंद्रियांक माध्यम करनुं प्राप्त जाता. परा म्हळ्यार इंद्रियांचे पेलतडेन वचून प्राप्त करनुं घेवचें परमात्मालें अध्यात्म विज्ञान आसता. श्री शंकराचार्यालो मतान वेद खंयचो साधन योग्य आनि खंयचे अयोग्य हें सूचित करचि शास्त्र आसा – 'इश्टानिश्टप्राप्तिपरिहारार्थिनः तत्प्रेरितविशेषप्रवृत्तेः नित्यादीनिकर्माणि विधियंते न केवल शास्त्रनिमित्तमेव ।'', ''श्रुतिश्च नोऽतिंद्रियार्थविषये विज्ञानोत्पतौ निमित्तम् ।''. अपरा विद्या म्हळयार तें ज्ञान–विज्ञान जें प्राप्त जालिल्यान मोक्ष प्राप्त जावचें अपेक्षित आसता – ''विधि प्रतिषेधार्थेन शास्त्रेण अकृतार्थत्वं आत्मज्ञानमंतरेण इति आख्यायिका प्रपंचयति ॥''. अपरा ज्ञान प्राप्त जावचाक मनुष्याक कुतूहल आसल्यार पुरो आसता पुण परा विज्ञान प्राप्त जावचाक मनुष्याक श्रधा, म्हळयार मन आनि अंतःकरण उघड दवरचें अपेक्षित आसता – ''श्रद्धा च ब्रह्मविज्ञाने परमं साधनं ...।''. जेन्नां अध्यात्म पातळीवयर विज्ञान प्राप्त जाता तेन्नां भौतिक पातळीवयलें अज्ञान गळनुं पडता – ''लौकिको वैदिकश्च व्यवहारः उत्पन्न विवेकज्ञानस्य अविद्याकार्यत्वात् अविद्यानिवृत्तौ निवर्तते ॥''.

वेदांतले ऋचांतु आशिल्ले परम रहस्याचे चारियी प्रकार – परा, पश्यंति, माध्यमा आनि वैखरी केवल संवेदनशील ऋशी मुनि जाणताचि पुण सामान्य जन केवल वैखरी प्रकार उलयताचि – ''चत्वारि वाक् परिमिता पदानि तानि विदुर् ब्राह्मणा ये मनीषिणः । गुहा त्रीणि निहिता नेंगयंति तुरीयं वाचो मनुष्या वदंति ॥''. देकून अध्यात्माचें ज्ञान–विज्ञान आत्मसात् करचें सामान्य जनांक कठीण आनि खडतर आसता म्हण्णुं पूर्व काळाचे ऋशींनि सांगिल्लो आसा – ''क्षूरस्य धारा निशिता दुरत्यया दुर्गंपथस्तत्कवयो वदंति ।''. अध्यात्माचें ज्ञान–विज्ञान स्वतः अनुभवचाक जाय, केवल अनुभवांतल्यान तें मेळता. मुखार सरनुं कठ उपनिषद सांगता किं अध्यात्माचे गूढ रहस्य केवल तांका प्राप्त जाता जे कोणांलो वयर परमात्मालि कृपा आसता – ''नायमात्मा प्रवचनेन लभ्यो न मेधया न बहुना श्रुतेन । यमेवैष वृणुते तेन लभ्यस्तस्यैष आत्मा विवृणुते तनूंस्वाम् ॥''. परम रहस्य जर संवेदनशील ज्ञान–विज्ञानान प्राप्त जाता तर केवल वेद पठन कितें कामाचें – ''ऋचो अक्षरे परमे व्योमन् यस्मिन् देवा अधि विश्वे निषेदुः । यस्तन्न वेद किं ऋचा अरिष्यंति य तद् विदुस् त इमे समासते ॥'' म्हण्णुं कोणिंयी विचारल्यार तांतूत आश्चर्य कसलें आसतालें?

स्रिश्टि निर्मिति जालिले नंतर परमात्मान संसारा खातिर जो 'अव्यय योग' निरूपण केलिलो तो इंद्रियांचे प्रभावाक लागून वेगळे–वेगळे व्यक्ति, काल, प्रदेश, परिस्थिति, प्रसंग, संदर्भानुसार विंग–विंगड तरेन बदलत, परिवर्तन, रूपांतरित जायत गेलिल्यान क्षीण, दूशित, भ्रश्ट जालो. तो परत प्रस्थापित जावचाक गुरूलो सहवास अत्यंत आवश्यक जालो. कारण टप्पे टप्प्यान, क्षणान् क्षणान् काळांतरान भौतिक ज्ञान प्राप्त करनुं घेवचें साध्य आसता. पुण अध्यात्मिक विज्ञान गूढ, गुह्य आसून आयकलिल्यान, वाचिल्यान सर्वांक उपलब्ध नासून केवल अधिकारी गुरूक उपलब्ध आसता. देकून ज्ञान अपरिपूर्ण, अपक्व आशिल्यान शांत, स्थिर मनान इंद्रियांचे पेलतडेन आशिल्लें ज्ञान–विज्ञान परिपूर्ण, परिपक्व आशिल्ले आचार्याले सेव करनुं, परत प्रश्ने विचारनुं प्राप्त

करका म्हण्णुं कृष्णान सांगिल्लें आसा – ''तद्विद्धि प्रणिपातेन परिप्रश्नेन सेवया । उपदेष्यंतितें ज्ञानिनस्तत्तत्त्वदर्शिनः ॥''.

कुरड्याक प्रकाश दिसना कारण ताका दोळे आसल्यारियी प्रकाश पोळोवचि द्रिश्टि ना. कुरड्याक द्रिश्टि दिल्यारि तागेले दोळे प्रकाश पोळोवुं शकतालो. मनुष्य मूळतः ज्ञान–विज्ञानान परिपूर्ण आसता. पुण तागेले मन आनि अंतःकरणा वयर अज्ञानाचो अंधःकार पसरिल्यान ताका तागेले आत्माचें रूपमैश्वर्य अज्ञात आसता. सर्व साधारण जन भौतिक पातळीवयले ज्ञानाचे आकर्षणाक लागून परमात्माले गूढ विज्ञान अज्ञात आसता, पुण ज्ञात जावचें कठीण आसता पुण अशक्य ना.

ज्ञान–विज्ञानान परिपूर्ण जालिलो आचार्य आवयन चेरडाक सांभाळले तरेन तें प्राप्त करनुं घेवचाक आधिकार प्राप्त जालिले शिष्याक तागेलो अज्ञानाचे (काळोखाचे) तीन रात्र काळजीन सांभाळता म्हण्णुं ऋग्वेदांतु सांगल्यां – ''पूर्वो जातो ब्रह्मणो ब्रह्मचारी धर्मं वसानस् तपसोदतिष्ठत् । तस्माज्जातं ब्राह्मणं ब्रह्म श्रेष्ठं देवाश्च सर्वे अमृतेन साकम् ॥ आचार्य उपनयमानो ब्रह्मचारिणं कृणुते गर्भम् । तं रात्रीस्तीस्र उदरे बिभ्रति तं जातं द्रश्टुं अभि संयंति देवाः ॥''. शिष्याले मनांतु भूत काळांतल्यान इंद्रियांचे प्रभावाक लागून संकलित जालिले विचार आनि संस्कारांचि शृंखला तुटून पडता. गुरूले वयर दावरिलो विश्वास श्रद्धेंतु रूपांतर जालिल्यान तागेले अंतरात्मांतु ज्ञान–विज्ञानाचि किरणांचो प्रकाश पसरनुं, दैवी शक्ति जागृत जालिले शिष्यालें तन आनि मन, वाणि आनि कर्म परमात्माले चरणांतु समर्पित जात. किंबहुना अध्याताचो प्रवास फ़लद्रूप जावनुं सहस्रांतलो एक मनुष्य कर्तुत्ववान्, कृतार्थ जाता. आनि ते शिष्याले ब्रह्मतेज चारी दिशेन पसैल्यान तो सर्व देवां सयत अमर जीवनांतु सहभाग घेवचाक देव ते ब्रह्मचारीक स्वागत करचाक मुखार येताचि.

ध्यानांतु आसचाक जाय किं अर्जुन सामान्य शिष्य न्हंय तर कृष्णाले वयलो विश्वास श्रद्धेंतु रूपांतरित जालिलो एक सक्षम शिष्य आसता. कृष्ण साधारण गुरु न्हंय तर घोर अंगिरसाले ''सोऽंतवेलायामेतत् त्रयं प्रतुपद्येताक्षितमस्यच्युतमसि प्राणसंशितमसीति ॥'' हे शाश्वत, सनातन सत्य, अक्षर तत्वाचे शिखवणेक लागून प्रभावित जावनुं द्वापर युगांतु भौतिक आनि अध्यात्मिक पातळीवयलो एक श्रेष्ठ द्रश्टा, महामानव, पुरुष, पुरुषोत्तम, परब्रह्मालो साक्षात् अवतार म्हण्णुं मानचांतु आयलो – ''ऋषयो मनवो देवा मनुपुत्रा महौजसः । कलाः सर्वे हरेरेव मृडयंति युगे युगे ॥ एते शांसकलाः पुंसः कृष्णस्तु भगवान् स्वयम् ।''. जें तरेन नाचिक्रताक यम धर्माताय गुरु म्हण्णुं प्राप्त जालो – ''वक्ता चास्य त्वादृगन्यो न लभ्यो'' ते तरेन कृष्ण अर्जुनाक पूर्ण विश्वास आनि श्रद्धेन गुरु म्हण्णुं साक्ष्हत् परमात्मा मान्य जालिलो आसा – ''शिष्यस्तेऽहं शाधि मां त्वां प्रपन्नम् ॥''.

अर्जुनाले सर्व प्रश्न्यांचे उत्तर अविभक्त जावनुं आशिल्ले कृष्णाले लागीं आसा. पुण तागेले सर्व प्रश्न्यांक उत्तर व्यापक पातळी वयल्यान दिल्यार तें ताका समजचें ना. कृष्णालो सखा, संबंधि, आप्त–बांधवां पेक्षा जास्त लागिचो मित्र आनि मनांतु श्रद्धा जागी जालिलि आसल्यारियी अध्यात्म ज्ञान–विज्ञान अनुभवचाक अर्जुनालें अंतःकरण अजून पूर्ण तरेन परिपक्व, सक्षम नाशिल्लें. कारण जो पर्यंत अर्जुनाले मनांतु उषःकालाचि किरनं ओळखुवचांतु येनांचि तो पर्यंत श्रेष्ठ ज्योतिस्वरूप प्रकाशाचि ओळख अंतःकरणांतु प्रकाशित जावचि ना. कृषालो द्रिश्टिकोण व्यापक आशिल्यान आनि अर्जुनाले प्रति आतां गुरूलो आशिल्यान जें अर्जुनान समजचें आसा, तें समजून घेवचाक जाय आनि जें समजवचें आसता तें अर्जुनान तत्कालीन वेव्हाराक अनुरूप आनि समजचे तसले भाशेंतु, समजचे तसले शब्दांतल्यान दिवचें आसता.

सामान्यतः जें आवय–बापयन सांगल्यारियी मान्य जायना तें मित्रान सांगल्यार तक्षण स्वीकारचांतु येता. कारण जें आवय–बापयलागीं सांगचाक येना तें मित्रा लागिं उलोवनुं सहजा सहज समजावचें शक्य जाता. अर्जुनाक ज्ञान–विज्ञानानाचे रूपमैश्वर्याचो साक्षात्कार करनुं दिवचें पयलें कृष्णान ज्ञान दीवनुं अंतःकरणांतु उषाःकिरण प्रकाशित केलिलें आसा. परमात्माले ज्ञान–विज्ञाना पासून विभक्त जालिलो अर्जुन आतां सभक्त जालिलो आसा. देकून कृष्ण पयलें मित्र म्हण्णुं समजावनुं आता परमात्मा म्हण्णुं अध्यात्मिक पातळीवयले

विज्ञान सावकाश सावकाश, पायरि पायरीन ताणे स्वत: प्रत्यक्ष आत्मसात् केलिलें सूक्ष्म विज्ञान सांगून अर्जुनाक मोहांतल्यान पूर्ण तरेन मुक्त जावचाक समजायत आसा. देकून आतां ते भौतिक पातळीवयले ज्ञाना सयत अध्यात्मुक पातळीवयलें विज्ञान जें अनुभवचें आसता तें – ''इदं तु ते गुह्यतमं प्रवक्ष्याम्यनसूयवे । ज्ञानं विज्ञानसहितं यज्ज्ञात्वा मोक्ष्यसेऽशुभात् ॥'' म्हण्णुं नीरूपण करत आसा.

गुरु शिष्यां मदलो संवाद ज्ञान–विज्ञानानाचें स्पश्टीकरणान जालिल्यान पूर्ण जाता. ''गूढ कहनेसे पुन: पुन: । चमत्कृत होगा तेरा मन । अब कहूंगा ज्ञान–विज्ञान । सहज भावसे ॥ सत्य असत्य ना जाने पर । इसका यथार्थ चुनाव कर । निकलता जैसे परख कर । कहूंगा वैसे ॥ अपनी चोंचकी संडसीसे जैसे । विभेदता हंस नीर क्षीर वैसे । कहूंगा ज्ञान–विज्ञान तुझसे । रहस्य मै आज ॥ ... अजी जानकारको वह ज्ञान । भावको करके भवमें लीन । देता मोक्ष–लक्ष्मीका सिंहासन । मोक्षार्थीको ॥''. ''ज्ञान जो विद्याओंके ग्राममें । गुरुत्वसे आचार्य–पदमें । सकल गुह्यके स्वामित्वमें । पवित्रम है ॥ ... दीखा अल्पसा गुरु–मुखसे उदित । यथा हृदयमें स्वयमेव स्थित । प्रत्यक्ष रूपमें होता है अनुभूत । अपने आप ॥ ... इसकी है एक महत्ता । पाने परभी नहीं खो जाता । अनुबवसे नहीं घटता । और बिगडता नहीं ॥ अर्जुन तू है तर्क–कुशल । यहां होकरके शंकाकुल । ऐसी वस्तु लोगोंमें कुशल । रही कैसे ॥ ... सब प्रकारसे ऐसा सुखकर । किंतु लोक सेवनसे बचकर । भ्रमका कारण धनुर्धर । रहा वह तज तू ॥'' (ज्ञानेश्वर).

सुरवातीक कृष्ण अंध:काराचे पेलतडेन आशिल्ले तें अलौकिक, असामान्य श्रेष्ठ ज्योतिस्वरूप प्रकाशाचि ओळख – ''राजविद्या राजगुह्यं पवित्रमिद्म्नुत्तमम् । प्रत्यक्षावगमं धर्म्यं सुसुखं कर्तुमव्ययम् ॥'' म्हण्णुं करनुं दिता. राजविद्या ती आसता जी सर्वांतु विद्येंतु श्रेष्ठ आसून ते विध्येचें वर्णन – ''इदं श्रेष्ठं ज्योतीषां ज्योतिरुत्तरं विश्वजिद्धानजिदुच्यते । विश्वभ्राड् भाजो मही सूर्यो दृश उरु प्रपथे सह ओजो अच्युतम् ॥'' आनि ''उद्वयं तमस्परि ज्योतिष्पश्यंत उत्तरम् । देवं देवत्रा सूर्यं अगन्म ज्तोतिरुत्तमम् ॥'' म्हण्णुं केलिलि आसा. सर्व प्रकाशांतु जास्त प्रभावित आशिल्ले जे विज्ञानाक लागून मनुष्याले अज्ञानाचे काजळ, दोश मनावयल्यान पुसल्यार अध्यात्माचो नितळ, निर्मल, स्वच्छ प्रकाश थंय निश्चित पसरनुं अंतिम ध्येय आनि लक्ष्य परमात्मालें अस्तित्व प्रतिबिंबित जालिलें जाणवतालें.

अध्यात्म ज्ञान आत्मसात् जावचे आसल्यार कृष्णाले अभीप्रायान गुरु वयर विश्वास आसचे पेक्षा मन आनि अंत:करण शुद्ध, पवित्र आनि उघड दवरनुं, म्हळयार श्रद्देन स्वीकारचें जास्त महत्व आसता. कारण शास्त्रांतु निरूपण केलिलें ज्ञान–विज्ञान जर केवल विश्वासान स्वीकारलें पुण श्रद्धेन तें आत्मसात् केलें ना तर तो मनुष्य परत हे सांसारांतु जन्म घेतालो – ''अश्रद्दधाना: पुरुषा धर्मस्यास्य परंतप । अप्राप्य मां निवर्तंते मृत्युसंसारवर्त्मनि ॥''. 'अश्रद्धधाना: पुरुष' म्हळयार जे मनांतु श्रद्धा नाशिल्ल्यान स्रिश्टींतु व्याकृत रूपान अभिव्यक्त जालिलें वस्तु–पदार्थांतु परामात्माक पळयना, ओंकार रूपान धुमधुमचो नादब्रह्म आयकना, परमात्मालें चैतन्य अनुभवना, जाका लागून मनुष्य माया–मोह रूपान झाकिल्लें भौतिक संसारांतु यंत्रवत्, मृतवत् जीवन जगत आसता – ''देख तू दूध पवित्र तथा मधुर । पासही है त्वचाके पदरके पार । किंतु किलनी सदा उसे छोडकर । चूसती रक्त–मात्र ॥... अथवा अभागीके परिवारमें । गडी स्वर्ण मुद्रा पडी सहस्रमें । किंतु भूखे मरते हैं दारिद्र्यमें । बैठकर पार्थ ॥ वैसे हृदयमें बसा है राम । सकलैश्वर्य सुखका आराम । किंतु भ्रांतका है सदा काम । विषयका ही ॥ दूर देख करके मृगजल । आधा निगला अमृत उगल । शुक्ता लाभार्थ डाला निकाल । गलेका पारसमणि ॥''.

लक्ष्यांतु घेवचाक जाय किं 'अव्यय योगाचें' निरूपण करताना कृष्णान पयलें भौतिक पातळीवयर संवाद साधनुं अर्जुनाक समजावचो प्रयत्न केलो आनि आतां परमात्माले भूमीकेवयल्यान अध्यात्मिक पतळीवयर उपदेश, दीत आसा. संसारांतु अध्यात्माचें ज्ञान–विज्ञान आत्मसत् केले शिवाय उपदेश दिवचे जन अनेक पुण भौतिक पातळीवयर संवाद साधचे क्वचित् आसताचि. संवाद साधचे व्यक्तींतु आनि उपदेश दिवचे मनुष्यांतु फ़रक

आसता. संवाद साधचे व्यक्तीवयर विश्वाअस आसल्याअर पुरो, दोन व्यक्तींक एक पातळीवयर आसचि अवश्यकता ना. कारण दोन व्यक्तींतलो भौतिक पातळी वयलो संवाद तेन्नांचि संभवता जेन्नां दोग्गांयी इंद्रियं आनि शब्दांचे माध्यमांतल्यान संवाद साधताचि.

उपदेश दिवचो गुरु आनि उपदेश घेवचो शिष्य हांका एक पातळीवयर एकमेकां वयर श्रद्धा आसचि अपेक्षित इतलेंचि न्हंय तर आवश्यक आसता, कदाचित् संभव नासतालें पुण तें असंभव सुद्धां ना. शिष्याक जर गुरून निरूपण करचें पूर्ण आत्मसात् करचें आसल्यार ताका नदीन उघड रितीन साअगरांतु प्रवेश केले तरेन मन आनि अंत:करण स्वत: उघड आसून गुरून केलिलो उपदेश कसलेंयी अडथळे नासताना प्रवेश करचें पडतालें. जर अर्जुनाक कृष्ण परमात्मा म्हण्णुं मान्य ना तर तो कृष्णान निरूपण करचे तागेले वयले विश्वासान स्वीकारलें तरियी कृष्णान अध्यात्मिक पातळीवयल्यान उपदेश केलिलें आत्मासत् जावचें ना.

आतां पर्यंत विचारिले प्रश्ने अर्जुनाले मनांताले कुतूहलाक आनि कृष्ण एक मित्र म्हण्णुं तागेले वयर आशिल्ले विश्वासाक लागून आशिल्ले. पुण जे प्रश्ने अर्जुनाक आतां विचारचे आसाचि ते संवाद साधचाक न्हंय तर उपदेश प्राप्त करचाक आसाचि. पुण उपदेश दिवचें पयलें अर्जुनाक कृष्णाक गुरु म्हण्णुं माननुं मनांतु आशिल्लो विश्वास श्रद्धेंतु परिवर्तन जावचाक जाय. श्रद्धावान् जावचें म्हळयार भौतिक पातळीवयले भूतकाळांतले विचारांनि प्रभावित जाय नासताना नवे विचारांक मनांतु अनिर्बंध अनि पूर्णतरेन प्रवेश दिवचें आसता.

एक मनुष्याक भौतिक पातळीवयर उलयिलें समजचें अपेक्षित आसता पुण अध्यात्मिक पातळीवयर निरूपण केलिलें ताका श्रद्धावान् जावनुं स्वीकारचें अपेक्षित आसता. श्रद्धा आसचाक जाय, श्रद्धे शिवाय दुसरो खंयचोयी मार्ग ना. एक गुरुत्वाकर्षण, लोहचुंबकाचे तरेन श्रद्धा अध्यात्माचे संवेदना आकर्शित करता. कामावासनेचें आकर्षण पेक्षां श्रद्धा मनुष्याक जास्त प्रभावान आनि सखोल आकर्शित करता. जो मनुष्य श्रद्धेन परमात्मा दिशेन आकर्षित जायना तो परमात्माले विशयचे ज्ञान–विज्ञान केन्नांयि आत्मसात् अकरचो न, प्राप्त करचो ना. देकून श्री शंकराचार्य – ‘‘श्रद्धा च ब्रह्मविज्ञाने परमं साधनं’’ म्हण्णुं सांगून श्रद्धा अध्यात्म ज्ञानाचे एक महत्वाचे साधन म्हणताचि. जर परमात्माक श्रद्धेन प्राप्त केलें ना तर मनुष्य भौतिक पातळीवयले अनेक आकर्षणांक लागून प्रभावित जायत जन्म मरणाचे संसार चक्रांतु घुटमळत उरतालो. जें भौतिक पातळीवयर अणेक चिन्ह, प्रतिकं, शब्द, संकेत, उदाहरण दीवनुं सुद्धां समजचें, समजवचें साध्य जायना तें अध्यात्मिक पातळीवयले एक अनुभवान आत्मसात् निश्चित जाता.

असंख्य प्रश्न्यांनि त्रस्त जालिले अर्जुनाले अंत:करणांतु कृष्णाक श्रद्धेचें एक किरण प्रकाशित करचि आस्साम् जाका लागून तागेलें सर्व जीवन चारी दिशेन प्रज्वलित जातालें. राजा जनकान याज्ञवल्क्याक विचारलें, जेन्नां सूर्य अस्त जाता, चंद्र आस्त जाता, अग्नि शांत जाता, वाचा शांत जाता तेन्नां खंयचे प्रकाशान पुरुष पळयता ? तेन्नां ताका उत्तर मेळता किं जेन्नां सूर्य, चंद्र, अग्नि, वाचा प्रकाशित आसनांचि तेन्नां पुरुष भितर अंत:करणांतु आशिल्लो आत्माले प्रकाशांतु पुरुष पळयता, बसता, चलता, कर्म करता आनि परतता – ‘‘आत्मैवास्य ज्योतिर्भवतीति, आत्मनैवायं ज्योतिषास्ते पल्ययते, कर्म कुरुते, विपल्येतीति ॥’’.

मनुष्यालि श्रद्धा तेन्नांचि सफ़ल जाता जेन्नां तो व्याकृत जालिले स्रिश्टींतले प्रत्येक वस्तु, पदार्थांतु परमात्मालें निराकार सूक्ष्म अस्तित्वाचो अनुभव जाता, जाका लागून स्रिश्टींतु व्याकृत जालिलि रूपं दिसचि नांचि पुण ते रूपांतु परमात्मालो अद्वितीय साक्षात्कार जातालो. तेन्नांचि गुरून विचारिले प्रश्न्यांक दिलिलें उत्तर समाधानकारक जाता. अध्यात्मिक पातळी वयलो उपदेश अयकलिल्यान सर्व कांय आयकुवचाक येता, जें अकल्पित आसता तें कल्पनेचे सीमेंतु येता, जें जाणिल्यान सर्व कांय जाणचांतु येता – ‘‘येनाश्रुतं श्रुतं भवत्यमतं मतविज्ञातं विज्ञानमिति ।’’. अध्यात्म ज्ञान सर्व सामान्य जनांक समजावचें कठीण आसल्यारियि शांत, शुद्ध, पवित्र, श्रद्धावान जालिले मनांतु ते फ़ुला तरेन फ़ूलनुं फ़ुलांचो सुगंध चारी दिशेन पसरिलो तरेन पसरनुं

किंवा पिकिलों आंबो झाडावयल्यान सहज आनि अनायास निसटून पडिलें तरेन संसारांतलें तापत्रयान निसटून मुक्त जाता.

अर्जुनालो द्रिश्टीकोण अजून इंद्रियान प्रभावित जालिलो आशिल्यान आनि परमात्मालें अध्यात्मिक अस्तित्व, जें अनंत काळा पासून अनंत काळा पर्यंत स्रिश्टींतलें सर्व चेतन–अचेतन भुतगण अनिर्बंध आनि अव्याहत व्यापून प्रभावैत जायत आसताचि, पुण जे भुतगणां पासून तो प्रभावित जायना – ''मया ततमिदं सर्वं जगदव्यक्तमीर्तिना । मत्स्थानि सर्वभूतानि न चाहं तेष्ववस्थितः ॥ न च मत्स्थानि भूतानि पश्य मे योगमैश्वरम् । भूतभृन्न च भूतस्थो ममात्मा भूतभावनः ॥'' तें भौतिक पातळीवयलें चिन्ह, प्रतिकं, शब्द, संकेत, उदाहरण वापरनुं कृष्ण आपण्यालें रूपमैश्वार्य आसा म्हण्णुं समजायता. कृष्णालें हें विधान शब्दान निरूपण करचें वा समजचें शास्त्र न्हंय किंवा तर्क बुद्धीन प्रस्थापित करचो सिद्धांत न्हंय, तर शुद्ध, पवित्र जालिलें अंतःकरणांतु आत्मसात् करचो अनुभव आसता.

शास्त्रांतु वापरचांतु येवचे शब्द गूढ आसून ते समजचाक जाय. सर्व साधारण व्होड वर्तुळांतु ल्हान वर्तुळ आसूं शकता पुण ल्हान वर्तुळांतु व्होड वर्तुळान प्रवेश करचें शक्य ना. विराटांतु क्षुद्र प्रवेश करूं शकता पुण क्षुद्रांतु विराट प्रवेश करूं शकना. तेचि तरेन स्रिश्टीचें अस्तित्व परमात्मालें वयर अवलंबून आसता, पुण परमात्मालें अस्तित्व स्रिश्टी वयर अवलंबून आसना. हें अध्यात्मिक गणीत भौतिक पातळीवयर सोडोवचाक जायना. भौतिक गणीतांतु एक वस्तूंतल्यान किंचित् थोडें काडल्यारियी ती वस्तु कमीं जाता. प्रेम सुगंधा तरेन प्रभावी आसता, जितलें सुगंध दुसर्यांवयर फ़ाफ़ुडचांतु येता तितलोचि सुगंध फ़ाफ़ुडचे मनुष्यालें शरीरावयर पडता. जो तरेन प्रेम दिलिल्यान प्रेम कमीं जायना ते तरेन परमात्मालो परम प्रेम, परम आनंद वाढता, कमीं जायना. परमात्मा विशाल, विराट, व्यापक आनि सखोल आशिल्यान परमात्मांतल्यान स्रुश्टि निर्माण जाल्यारियी परमात्मा कमिं जायना. देकून ईश उपनिषद म्हणता – ''ओं पूर्णमदः पूर्णमिदं पूर्णात्पूर्णमुदच्यते । पूर्णस्य पूर्णमादाय पूर्णमेवावशिश्यते ॥''. व्याकृत जालिलि स्रिश्टि पूर्ण आसा, आव्याकृत आशिल्लो परमात्मा पूर्ण आसा. आव्याकृत पूर्णांतल्यान व्याकृत पूर्णाचि निर्मिति जालिलि आसा. आव्याकृत पूर्णांतल्यान व्याकृत पूर्ण निर्माण जाल्यारियी आव्याकृत पूर्ण पूर्णचि आसता म्हण्णुं सांगिल्लें आसा.

परमात्मालें व्यापक अस्तित्वाक लागून सर्व कांय निर्माण जालिल्यान तो ''पुरुष एवेदं सर्वं यद् भुतम् यच्च भव्यम् ।'' आनि सर्व व्यापून आशिल्यान आनि ताणें व्यापिल्लो नाशिल्लें कसलेंयी नाशील्यान तो पुरुष – ''स वा अयं पुरुषः सर्वासौ पुर्षु पुरीशयः ; नैनेन किंचनानावृतम्, नैनेन किंचनासंवृतम् ॥'' आनि ''यस्माद् विश्टं इदं सर्वं वामनेन महात्मना तस्मात् स वै स्मृतो विष्णोर देहो प्रवेशन्मात् ॥'' विष्णु म्हण्णुं संबोधित जालो. ''नाम है मेरे विस्तारका । जान तू संपूर्ण जगतका । जैसा दही होता है दूधका । सहज जमकर ॥ जैसा बीजका वृक्ष बनता । या सोनेका गहना बनता । वैसा है मेरा विस्तार होगा । जगतके रूपमें ॥ ... भास होते है भूतमुझमें । किंतु मैं नही जान उनमें । कही है पहले सातवेमें । तुझे यह बात ॥'' (ज्ञानेश्वर).

आकाशांतु संचार करचे वायु तरेन स्रिश्टींतलें सर्व भूतजातीक तो व्यापून आसून तो तांका सृजन करत आसता म्हाणुं परमातालो व्याप आसता – '' यथाकाशस्थितो नित्य वायुः सर्वत्रगो महान् । तथा सर्वाणि भूतानि मत्स्थानीत्युपधारय ॥''. परमात्मालें असामान्य अद्वैत अस्तित्वांतल्यान अनेक नामरूपान अनेक रूपांतु, अणु–अणूंतु द्वैत अस्तित्व निर्माण जावनुं सृजन, इंद्रियांचे प्रभावाक आनि प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाक लागून नवें रूप, नवो रंग, नवो गंध, नवें चैतन्य घेवनुं बदलत, परिवर्तन, रूपांतरित जायत प्रळय काळाचो अंत समय आयलो किं परमात्मांतु परत विसर्जन जाता – ''सर्व भूतानि कौंतेय प्रकृतीं यांति मामिकाम् ॥ कल्पक्षये पुनस्तानि कल्पादौ विसृजाम्यहम् ॥ प्रकृतिं स्वामधिष्ठाय विसृजामि पुनः पुनः । भूतग्राममिमं कृत्स्नमवशं प्रकृतेवशात् ॥''. स्रिश्टि निर्माण केलि म्हण्णुं परमात्माक कांयिं नवें निर्माण करचें ना, कांयी साधचें ना. स्रिश्टी निर्माण, सृजन किंवा विसर्जन पासून तो अलिप्त आनि उदासीन आसता, देकून तो ते सर्व कार्यक्रम ताका बंधनकार जायनांचि

– 'न च मां तानि कर्माणि निबध्नंति धनंजय । उदासीनवदासीनमसक्तं तेषु कर्मसु ॥''. जे तरेन सूर्य सर्व जगाक प्रकाशित करता पुण प्रकाश सूर्याक प्रकाशित करना ते तरेन परमात्मान घालनुं दिलिले यम–नियमं स्रिश्टींतले सर्व घटकांक बंधनकारक आसताचि, पुण परमात्माक बंधनकारक आसनांचि. संत ज्ञानेश्वर संगाताचि – ''उमडता जब ज्वार सिंधु–जलका । रोक न सकता तब बांध मूमका । वैसे मैं हूं सकल कर्मोंकि पूर्णता। यह क्या बांधेगे मुझे ॥ .. जैसे पर्वतके उदरस्थ । न करे पर्जन्य–धार त्रस्त । वैसे प्रकृतिके कर्मजात । मुझे न करते स्पर्श ॥''.

व्याकृत जालिले स्रिश्टींतु अराजकता न्हंय तर एक दिशा, विकासांतु एक प्रयोजन, व्यवस्थेंतु एक नियमबद्धता, एक सुराज्य अपेक्षित आसता. देकून परमात्मा एक व्यक्ति न्हंय तर अव्याकृत अस्तित्व व्याकृत जालिले पासून कल्पाचे अंत समय परमात्मांतु विसर्जन जावचे पर्यंत अध्यक्ष रूपान वावुरचि एक सनातन, शाश्वत, निर्माता, पालनकर्ता, नियंता, संहार कर्ता म्हण्णुं अंतरव्यवस्था योजनेंतु हाडिल्लि एक शक्तीचि कल्पाना पुरातन काळांतु करचांतु आयलि. देकून जें घडता तें सर्व परमात्माले देखरेखि सकयल प्रकृति चेतन–अचेतन चराचरां आप–आपण्याले कार्य करचाक प्रवृत्त जाताचि म्हण्णुं कृष्ण ध्यान आकर्शित करता – ''मयाध्यक्षेण प्रकृतिः सूयते सचराचरम् । हेतुनानेन कौंतेय जगद्विपर्वर्तते ॥''. निर्माण जालिले स्रिश्टींतु कांयिं नवे निर्माण करचें नासल्यारियी निर्माण केलिलि स्रिश्टी नियंत्रणेंतु दवरचाक परमात्मान धर्म यम–नियमांचे नियोजन केलिलें आसता. कारण तशें केलिले नासल्यार स्रिश्टींतले प्रत्येक घटक स्वतःचे इच्छानुसार, आप–आपण्याले गुण स्वभावाक लागून वागचाक स्वतंत्र आसताले, जाका लागून स्रीश्टींतलि व्यवस्था विघटित जावचि संभावना आसता.

ध्यानंतु दवरचाक जाय किं स्रिश्टींतु जे सर्व घटना, संदर्भ, प्रसंग घडत आसताचि ते सर्व चेतन अचेतन घटकांतु आशिल्ले आत्माक सृजन केलिल्यान घडत आसताचि. देकून निर्माण जालिलि स्रिश्टि किंवा प्रस्थापित केलिले धर्म यम–नियमांचे रक्षण आनि पालन जाता किं ना म्हण्णुं पोळोवचें दायित्व केवल परमात्माले मात्र न्हंय तर स्रिश्टींतु व्याकृत जालिले प्रत्येक चेतन अचेतन घटकांचें आसता. देकून स्रिश्टींतलो एक घटक धर्म यम–नियमांचे विपरिट प्रवृत्त जाता तर परमात्मा स्वतः स्रिश्टींतु परत व्याकृत रूपान अवतरता ही कल्पना केवल कवि कल्पना आसून स्रिश्टि नियंत्रण दवरचे जें कार्य करचें आसता तें निर्माण जालिले चेतन–अचेतन घटकांतु अंश रूपान प्रस्थापित जालिलें आशिल्ले एक आत्माक सृजन करनुं तागेले अध्यक्षते सकयल साधचें शक्य आसता.

कृष्ण स्वतः असलो एक वापक प्रभावी माध्यम जावनुं आसा जो तागेले स्थूल शरीरांतु आशिल्लें प्रभावी परमात्मा तत्व जाणता पुण तो सांगता कीं संसारांतु अनेक मूढ जन कृष्णाले स्थूल मनुष्य रूपांतु आशिल्लें परमात्म–तत्व सृजन जालिलें जाणनांचि – ''अवजानंति मां मूढा मानुषीं तनुमाश्रितम् । परं भावमजानंतो मम भूतमहेश्वरम् ॥''. कृष्ण असले जनांक मूढ म्हणता. मूढ म्हळयार मूर्ख मनुष्य न्हंय तर तो जो अज्ञान आनि असुर गुण स्वभावान प्रभावित जावनुं स्वतः कांयी जाणत नासल्यारियी आपूण सर्व समजता, सर्व जाणता म्हण्णुं अविर्भाव हाडनुं दुसर्यांक उपदेश दीत फ़िरता. असले जनांक उपनिषद – ''अविद्यायामंतरे वर्तमानाः स्वयं धीराः पंडितं मन्यमानाः । जंघन्यमानाः परियंति मूढा अंधेनैव नीयमानाः यथांधः ॥'' म्हण्णुं संबोधन करता. असले जनां विशय कृष्ण चिंतित असता. कृष्ण म्हणता व्यर्थ आसता तागेलि कामना, व्यर्थ आसता तागेलें लक्ष्य, व्यर्थ आसता तागेलि द्रीश्टी, व्यर्थ आसता तागेलें कर्म, व्यर्थ आसता तागेलो धर्म, व्यर्थ आसता तागेलें तप, व्यर्थ आसता तागेलि साधना, परमात्मालें दिव्य ब्रह्मतत्वाचि समज नासताना व्यर्थ आसता तागेलें जीवन – ''मोघाशा मोघकर्मणो मोघज्ञाना विचेतसः । राक्षसीमासुरी चैव प्रकृतिं मोहिनीं श्रिताः ॥''.

सामान्यतः विषय वासनेन आसक्त जालिले मनुष्य इंद्रियंचे अयोग्य प्रवृत्तीक लागून संसाराचे बंधनांतु अडखळनुं स्रिश्टींतु जें प्रिय आसा तें श्रेय नासल्यारियी शोधता पुण विवेक बुद्धीन जें श्रेय आसता पुण प्रिय

नाशिल्यान शोधना. ताका लागून सर्व काळ जीवनांतु अशुद्ध, अशुभ, अपवित्र, अचैतन्य, असुरी प्रवृत्तीचे विचार, आचार करत आसताचि. पुण ज्ञान–विज्ञान प्राप्त करनुं अधिकार प्राप्त केलिलो ज्ञानी मनुष्य विवेक बुद्धि वापरनुं आपण्याले जीवन धर्म यम–नियम आनि परमात्माले सत्य स्वरूपाचे अनुकूल जीवन जगता.

जर मनुष्य श्रम घेत नासताना, नामस्मरण, जप–तप, श्रवण, मनन, चिंतन, ध्यान–धारणा करत नासताना अज्ञानाचे अंध:कारांतु स्वस्थ बसल्यार ताका परमात्मा केन्नांयी उपलब्ध जावचो ना. ज्ञान–विज्ञानाचो प्रकाश प्राप्त करनुं घेवचें म्हळयार परमात्माले सृजनशक्ति उपस्थित जावचाक दिलिलो अवकाश आसता. देकून जो मनुष्य आपण्याले भ्रामिक जीवनांतल्यान भायर पडनुं प्रकाशांतु येता ताका निश्चित ज्ञान–विज्ञानाचे स्रोत स्रिश्टींतले प्रत्येक घटकांतु दिसून येतालें. शोधल्यार परमात्मालें दर्शन मनुष्याक निश्चित जातालें. जर कृष्णाक एक सामान्य मनुष्य म्हण्णुं माननुं तागेलें भौतिक पातळीवयले जीवन मात्र परिशीलन केलें तर स्थूल मनुष्य रूपान अज्ञात आशिल्लें अध्यात्मिक रूपामैश्वर्य ज्ञात जावचें ना.

''जिसकी दृश्टिमें हुयी कामली । देखता वह चांदनी भी पीली । वैसा मेरा स्वरूप जो निर्मल । देखते है मलीन ॥ .. स्थूल दृश्टिसे मुझे पार्थ । देखना है जान तू व्यर्थ । स्वप्नमें पीनेसे अमृत । न होता अमर ॥ ..मुझको देहधारी मानकर । निश्चय किया है धनुर्धर । उसने चंद्र समझकर पकडा प्रतिबिंब ॥ .. जिससे अनामको नाम । मुझ क्रिया–शून्य । अशरीरको देह धर्म । आरोपते ॥ .. सर्वसा मैं स्वयं सिद्ध । बाल तरुण और वृद्ध  एक रूपका संबंध । जानते वे मुझे ॥ मुझ अद्वैतको द्वैत । अकर्ताको माने कर्ता । तथा अभोक्तको भोक्ता । वह जानते ॥ .. मैं हूं सर्वदा स्वानंदाभिराम । मुझे माने सकल–सुखकाम । सर्वत्र व्याप्त हूं संपूर्ण सम । मानते मुझे स्थनिक ॥ आत्मा मै चरचरमें बसता । कहते एकका पक्ष लेता । दुसरेको शत्रु बन मारता । बढा चडाके गाते यह ॥'' (ज्ञानेश्वर).

परमात्मा अंतिम सत्य, अस्तित्व आशिल्यान ताका सुरवात ना किंवा अंत ना म्हण्णुं मानचे ज्ञानी जन परमात्मले अंशरूपान आशिल्ले आत्माक सुद्धां सुरवात ना–अंत ना, जन्म ना–मरण ना, जाति, धर्म, संप्रदाय ना म्हण्णुं स्वीकारताचि. देकून असले जन बरें–वायट, पुण्य–पाप, श्रेय–प्रेय असले द्वंद्वांतल्यान मुक्त जावनुं शुद्ध, शुभ, पवित्र, चैतन्यरूपान आशिल्लें सत्य शोधचाक सक्षम आसताचि. दिव्य, प्रकाशमय मार्ग प्रवास करताना दैवी शक्तिचें अभिव्यक्त स्वरूप स्रिश्टींतले कणकणांतु पळयत  परमात्माले अव्यय, अक्षर, अविनाशी, सनातन शक्तीचि उपासना करताचि – ''महामानस्तु मां पार्थ दैवी प्रकृतिमाश्रिया । भजंत्यनन्यमनसो ज्ञात्वा भूतादिमव्ययम् ॥''.

ज्ञान–विज्ञानान संवेदनशील जालिले जन परमात्माक स्रिश्टींतले वस्तु पदार्थांतु, वेग–वेगळे आकरांतु, इंद्र धनुष्यांतले सप्त–रंगांतु एक निराकार अस्तित्व पोळोवनुं परमात्मालें अद्वैत, अद्वितीय निराकार रूप स्मरण, मनन, ध्यान, दारणा करनुं धृड बुद्धीन स्रिश्टींतु परमात्मा शिवाय अन्य कांयि ना, कांयि आसूं शकना, जें आसता तें केवल सत्य, अंतिम अस्तित्व म्हण्णुं माननुं परमात्मालि उपासना – ''सततं कीर्तयंतो मां यतंतश्च ढृढव्रता: । नम्स्यांतश्च मां भक्त्या नित्ययुक्ता उपासते ॥ ज्ञानयज्ञेन चाप्यंते यजंतो मामुपासते । एकत्वेन पृथक्त्वेन बहुधा विश्वतोऽमुखम् ॥'' म्हण्णुं करता.

परमात्मा सर्व कडेन समसमान आसता. ''न तस्य प्रतिमाऽस्ति यस्य नाम महद् यश: ।'' म्हण्णुं वेदवचन आसल्यारियी ''तद्तत्पदनीयमस्य सर्वस्य यदयात्मा, अनेन ह्येतत्सर्वं वेद ।'' म्हण्णुं उपनिषद ताजे अभिव्यक्त सव्रूपा दर्शायता. परमात्मा असीम आशिल्यान खंयचेंयी एक रूपान तो सीमित ना, स्रिश्टींतु जें आसता, तें सर्व तोचि आसा. स्रिश्टींतु जें कांय आसा तें सर्व परमात्मालेंचि अंश रूपान अभिव्यक्त जालिलें आसा. देकून परमात्माले साक्षात्काराचें किंवा तागेले रूप आकाराचें वर्णन शब्दांतल्यान करचें साध्य जायना. पंचरात्र  शास्त्रांतु ''सद्गुण्यविग्रहं देवं तदृशा च श्रीया युक्तात्मा'', ''श्वसनवेद्यं तु तद्विद्धि गंधं पुष्पादिगे यथा'', ''अनद्यवंतं परं ब्रह्म यत् तद्यहरणद्ययं अनाम अरूप असंभेध्य असवंगममनसहोचरं सर्व शक्ति समाख्यं सद्गुण्यमजरं धृवम् ।'',

"आनंदलक्षणं ब्रह्म सर्वहेयविवकृतं स्वसंवेद्यंमनौपमन्यं पराकाश्टा परागतिः सर्वेकयाविनिर्मुक्तं सर्वसंश्रयं प्रभुः ॥" म्हण्णुं निराकाराचे वर्णन करनुं सनातन सत्याचे साकार रूप नारायण म्हळयार जो 'नार' उदकांतु शयन करता – "तास्ववात्सीत् स्वसृष्टासु सहस्रपरिवत्सरान् । तेन नारायणो नाम यदापः पुरुषोद्भवः ॥" म्हण्णुं संबोधन जालो. स्रिश्टी निर्मिति आनि प्रळयाचे अंतराळांतु प्राप्त जालिलें स्थूल रूप–आकार विसर्जन आनि स्थित्यंतर आपण्याले निरण्तर आनि अनंत काळ पर्यंत प्रवाहाक क्षीर सागराचे आनि शेष शयानाचे रूपक दीवनुं विराजमान जावनुं अनंतकाळालो सनातन ओंकार हृदयांतु स्पंदन जायत निद्रावस्थेंतु आसता – "... तदाऽऽसीत् यन्निद्रयामीलितदृंन्यमीलयत् । अहींद्रतल्पेऽधिशयान एकःक्रतक्षणः स्वात्मरतौ निरीहः: ॥ सोऽंतशरीरेऽर्पितभूतसूक्ष्मः कालात्मिकां शक्तिमुदीरयणः । उवास तस्मिन् सलिले ओअदे स्वे यथाऽनलो दारुणि रुद्धविर्यः ॥" (भागवत पुराण). देकून श्री शंकराचार्यांनि – "नामोपास्स्व ब्रह्मेति ब्रह्मबुद्ध्या । यथा प्रतिमां विष्णुबुद्धयो–आस्ते तद्वत् ॥" म्हण्णुं स्पश्टीकरण दिलिलें तरेन भावनेन स्वीकारिलिं साकार रूपं तें अंतिम दिव्य तत्वाचिं प्रतिकं म्हण्णुं ध्यान, द्रारणा, उपासना करचें श्रेयस्कर जातालें.

जर परमात्मा प्रकट रूपान मनुष्याले मुखार उभ राबलो तर मनुष्य ताका ओळखुवचो ना. एक विशिश्ट संप्रदायेंतल्यान रूपरेषा घालनुं दिलिलि तरेन मनुष्य भिन्नत्व भावनेन परमात्माक अनेक तरेन आनेक साकार रूपांतु ब्रह्मा–विष्णु–महेश्वर किंवा अन्य जें रूप भावता तें रूप स्वीकारनुं नित्य नितंतर पूजा–पाठ, नामस्मरण–अर्चना, भजन–संकीर्तन पूर्वकाळा पासून करत आयला. मनुष्यांक परमात्मा विशय आसचि कल्पना तांका अंतिम माध्यम म्हण्णुं मानचें अनुचित इतलेंचि न्हंय तर अध्यात्मिक मार्गावायर धोकादायक आसता. देकून स्वामी समर्थ रामदास म्हणताचि – "देव तें कल्पनामात्र । देव् नांहीं वतंत्र । मंत्राधीन ॥ येथ न बोलतां जाणावें । बोलणें विवेका आणावें । आंधळे पाउली वोळखावे । विचक्षणें ॥ जयास जैसें भसले । तेणें तैसें कवित्व केलें । परि पाहिजें निवडिलें । प्रचीतीनें ॥" (दासबोध).

देकून खंयचोयि मार्ग, विधि, विधान उपयोजनेंतु हाडल्यारियी, खंयचेयि रीत–रिवाज स्वीकारल्यारियी खंयचेयि रूपांतु शोधल्यारियि परमात्मा प्राप्त जाता. कारण प्रवास शरीराचो सीमित आकराचो न्हंय, सीमित शरीराचे आकरांतु आशिल्लें आत्मालो सुद्धां आसता. जर मनुष्याक आपण्याले ज्ञान–विज्ञानाचे लक्ष्य निश्चित आसता तर तें लक्ष्य प्राप्त करचाक अनेक मार्ग, विधि, विधान उपलब्ध आसताचि. जे मनुष्यांक निराकार परमात्मालो विज्ञानाचो प्रकाश उपलब्ध ना, पुण ज्ञानाचे प्रकाशाचिं किरणं उपलब्ध आसचि तांका जे तरेन इंद्रधनुष्यांतले सप्त रंगाचे प्रतिबिंबाक लागून सूर्यालें अद्वैत निराकार बिंबाचि कल्पना करचें साध्य जाता. देकून प्राचीन काळापासून ऋशि मुनींनि आपण्याले साक्षात्काराक लागून प्राप्त जालिलें प्रमात्माले निराकार अस्तित्व सामान्य मनुष्यांक ज्ञात करचाक जे अनेक लौकिक शब्द, संकेत, रूपकं, दृश्टांत उपयोजनेंतु हाडले तें कृष्ण आतां परमात्माले पातळिवयल्यान आपूण यज्ञकर्म, यज्ञ, यज्ञांतु दिलिलि आहुति, यज्ञांतु वापरचांतु येवचि सामग्रि, मंत्रं, तूप, अग्नि, अर्घ्य, स्रिश्टीचो आवय, बापय आनि आजो, पुराण पुरुष,वेदांतल्यान जाणचांतु येवचें विज्ञान, पवित्र ओंकार, ऋग्–साम–यजुर्वेद, अंतिम लक्ष्य, सर्वांलो स्वामी, साक्षी, निवास आनि आश्रय स्थान, उतपत्ति आनि प्रलयाचो कारण न्हण्णुं अभिव्यक्त परमात्मा जावनुं आसा – "अहं ऋतुरमहं यज्ञः स्वधाऽहमौषधम् । मंत्रोऽहममेवाज्यमहमग्बिरहं हुतम् ॥ पितामहस्य जगतो माता धाता पितामहः । वेद्यं पवित्रमोंकार ऋक्साम यजिरेव च ॥ गतिर्भर्ता प्रभुःसाक्षी निवासः शरणं सुहृत् । प्रभवः प्रलयः स्थानं निधानं बीजमव्ययम् ॥".

सूर्याले स्थूल रूपांतल्यान उदाक खेंचून घेवचो, मोडाचे रूपान पावूस वर्षा करचो, अमृत रूपान जीवांक सृजन करचो आनि मृत्यूचे रूपान जीवांक विसर्जन करचो, सत् आनि असत् रूपांतु, प्रकाश आनि काळोखाचे रूपांतु आसचो तो एकमेव परमात्माचि आसता. तीन वेदांतु निदर्शन जावचो, सत्कार्य करचो, सोमरस पीवचो, पापांतल्यान पवित्र करचो, यज्ञकर्मांतु स्वर्गसुखा खातिर पूजचांतु येवचो, पुण्यांचे फ़ल म्हण्णुं

स्वर्ग दिवचो परमात्माचि आसता – ''तपाम्यहमं वर्षं निगृह्णाम्युत्सृजामि च । अमृतं चैव मृत्युश्च सदसच्चाहमर्जुन ॥''.

ध्यानांतु दवरका किं उलयिले शब्दान मनांतले अव्यक्त विचार व्यक्त जावचि अपेक्षा आसता; पुण जे परमात्मा विशय उलोअवचांतु येता तो मन आनि शब्दांचे पेलतडेन आशिल्यान उलोवचि इच्छा, कामना आसल्यारियी व्यक्त केलिल्यान पूर्ण जायना. कारण छंदोग्य उपनिषद सांगता किं इच्छा, कामना वास्तवांतु शुद्ध आसताचि पुण अशुद्धतेन कवटालिले आसताचि. देकून जीवंत आशिल्लो किंवा मरण पाविल्ले सर्वांले इच्छा, कामना प्राप्त जायनांचि, जे भितर अंतरंगांतु प्रवेश केलिल्यानचि प्राप्त जाताले, कारण थयींचि अशुद्धतेन कवटालिले नाशिल्लो शुद्ध इच्छा, कामना उपलब्ध आसताचि – ''त इमे सत्याः कामा अनृतापिधानाः तेषां सत्यानां सतामनृतमपिधानं ... अथ ये जीवा ये च प्रेता यच्चान्यदिच्छन्नलभते, सर्वं तदत्र गत्वा विंदतेऽत्र ह्यम्यैते सत्याः कामा अनृतापिधानाः ... ॥''.

देकून प्राचीन काळापासून ऋशि मुनींनि ऋग्, साम आनि यजुर्वेद हे तीन ग्रंथांतल्यान, ऋशिमुनितुल्य प्रतिभावान् ज्ञानी जनांनि सांख्य, मिमांस्य, वैशेशिक, न्याय, योग आनि वेदांत किंवा ब्रह्मसूत्र दर्शन साहित्यांतल्यान, श्री शंकराचार्य, श्री रामानुजाचार्य आनि श्री मध्वाचार्यांनि ब्रह्मसूत्र, भगवद् गिता आनि दशोपनिषदांवयर भाष्य बोरोवनुं वर्तमानाकाळांतु अनेक संप्रदाय जन्माक आयले. ''बहुत शास्त्रीं बहुत भेद । मतमतांस विरोध । ऐसा करिता विवाद । बहुत गेले ॥ सहस्रांमध्यें कोणी येक । पाहे देवाचा विवेक । परि त्या ऐएवाचें कौतुक । ठांयी न पडे ॥ ठांयी न पडे कैंसे म्हणतां । तेथेंचि लागली अहंता । देव राहिला परता । अहंतागुणें ॥'' (स्वामि समर्थ रामदास – भावभोद).

गुरु किंवा संप्रदाय हें अंतिम लक्ष्य न्हंय तर अंतिम लक्ष्याचे दिशेन उघडचे द्वार आसताचि. जीवनांतु परमात्मालो शोध घेवचे अनेक संप्रदाय, अनेक मार्ग, अनेक द्रिश्टीकोण, अनेक विधि, यम, नियम उपलब्ध जालिले आसाचि. पुण हे अनेक संप्रदायेंचे शब्दांचे कोलाहलांतु परमात्माले ओंकाराचो निःशबद आयकूवचाक येना कारण श्री शंकराचार्यांनि सांगिल्ले तरेन हे सर्व ''शब्दजालं महारण्यं चित्तभ्रमणकारणम् । अतः प्रयत्नाज्ज्ञातव्यं तत्वज्ञात्वामात्मनः ॥'' – शब्दांचे महा संभ्रमांतु अडकलिले मनुष्याक अवकाशांतलो गूढ निःशब्द आयकुवचाक येवचें ना, ही शोकांतिका जावनुं आसा. देकून शब्दांचो उपयोग केल्यारियी सत्य उलोवनुं शब्दांतले महारण्यांतु तो आडखळता. ताका लागून एकान उलयिलें मनाक पटल्यार दुसर्यांन उलयिले पटचें ना. जे मनुष्याक शब्दां मागशिं आशिल्लो निशब्द आयकुवचांतु येता ताका उपनिषद धीर म्हण्णुं संबोधन करता – ''तमेव धिरो विज्ञाय प्रज्ञां कुर्वीत ब्राह्मणः । नानुध्यायाद् बहूंशब्दान्, वाचि वुग्लापनं हि तत् ॥''.

परमात्मा संपुर्ण विश्व व्यापून आशिक्यान मनुष्य परमात्माले पासून कितलो दूर गेल्यारियी, कितले भटकत असल्यारियी तो परमात्माले लागींचि आसतालो. अर्जुनाक परम तत्वाचो अनुभव नाशिल्लो तरियी तो नास्तिक जनांतरेन अंतःकरणांतु आशिल्लि दिव्य शक्ति नाकारनाशिल्लो. शास्त्र, संप्रदाय, संस्कारांक लागून ताका अज्ञात आध्यात्माचि कल्पना आशिल्लि. पुण अजून पूर्ण संवेदशील जालिले नाशिल्यान परमात्माले अस्तित्व स्रिश्टींतले कण–कणांतु, अणु अणूंतु, रूप–रूपांतु तो पोळोंव शकनाशिल्लो. देकून ताका प्रवास खंयचान सुरु केल्यारियी, खंयचे द्वार उघडल्यारियी, खंयचि उपासना केल्यारियी खंय आसता थंयचान परमात्माक एकमेव लक्ष्य करनुं यात्रा पूर्ण करचो आसता. पुण हे प्रवासांतु खंयचो मार्ग, खंयचे साधन, खंयचि दिशा स्वीकारचांतु येता तें महत्वाचें आसता. देकून श्रेष्ठ ज्ञानी मानव अनन्य भावनेन ते सनातन दैवी अस्तित्वाक – ''ओं ब्रह्मविदाप्नोति परम् । सत्यं ज्ञानमनंतं ब्रह्म । यो वेद निहितं गुहायां परमे व्योमन् । सोऽश्नुते सर्वान्कामान्सह । ब्रह्मणा विपश्चितीति ।'' म्हण्णुं उल्लेख करनुं शरण वताचि.

कृष्णान पयलेंचि सांगिल्लें आसा किं अनेक रूपं, आकार, प्रतीकं, संस्कार, संप्रदाय माध्यम म्हण्णुं उपलब्ध जालिल्यान मनुष्यालो अध्यात्मचो प्रवास तांग–तांगेले गुण स्वभावायर निर्भर आसता. देकून सर्व

साधरण दिसता किं इंद्रियान आसक्त जालिलो मनुष्य सत्य, ऋत आनि धर्मा विशय तर्क–वितर्क, वाद–विवाद करत वेदांतले मंत्रांचे अधारा वयर यज्ञ कर्म करनुं स्वर्ग सुखाचे स्वप्न दाखोवचे जानांवयर विश्वास दवरनुं यज्ञ करचक प्रवृत्ता जातचि. आसले जनां पासून मनुष्यान दूर आनि जागरूक आसचाक जाय. कृष्ण परत हे प्रसंगांतु सांगता किं वेद विज्ञान जाणचे आनि पुण्य सोमाचें सेवन करचे ज्ञानी मनुष्य परमात्माक यज्ञकर्मांतल्यान पूजन प्रार्थना करनुं स्वर्गलोक्का वताचि दैवी सुखाचि उपभोग घेत आसताचि. आअनि स्वर्ग सुखाचेअ इच्छित फ़ल पूर्ण जालें किं हे मर्त्यलोकांतु प्रवेश करताचि आनि धरमाचे यम–नियमांचे पालन करत आपण्यालें जीवन जगताचि – ''त्रैविद्या मां सोमपाः पूतपापा यज्ञैरिष्ट्वा स्वर्गतीं प्रार्तयंते । ते पुण्यमासाद्य सुरेंद्रलोकमश्नंति दिवानदिवि देवभोगान् ॥ ते तं भुक्त्वा स्वर्गलोकं विशालं क्षीणे पुण्ये मर्त्यलोकं विशंति । एवं त्रयीधर्ममनुप्रपन्ना गतागतं कामकामा लभंते ॥''.

कृष्ण म्हणता किं जेन्नां मनुष्य विषयासक्त जाय नासताना आपून जें कांय करता तें अहंकाराक स्वतः खातिर करत नासताना आपण्यालें कर्म, पुजा–पाठ, अर्चना–आराधना, ध्यान–धारणा, जप–तप भक्ति–उपासना अनन्य भावनेन लोक कल्याणा खातिर यज्ञ कर्म म्हण्णुं करता तेन्नां परमात्मा ते साधकालें क्षेम म्हळयार समाधान प्राप्त जावचाक तांगेलि साधना दृढ आनि सक्षम करता – ''अनन्याश्चिंतयंतो मां ये जनाः पर्युपासते । तेषां नित्याभियुक्तानां योगक्षेमं वहाम्यहम् ॥''.

ध्यानांतु दवरका किं योग मनुष्याक प्राप्त जालिले एक महत्वाचे साधन जे मुखांतर जीवात्मा परामात्माले पूर्ण अस्तित्वांतु विरघळून वच्चाक उपलब्ध जालिलि परम संधि, अखेरचि पायरि आसता. जो पर्यंत जीवात्मालें अस्तित्व परामात्माले पूर्णत्वांतु विरघळून वचना तो पर्यंत साधकाले मन अस्थिर आसता. गुण स्वभाव जरि प्रकृतीन दिलिले आसल्यारियी करचें कर्म मनुष्यालेंचि आसता, जें ज्ञान–विज्ञान प्राप्त करनुं पूर्ण करयेत. ताजे खातिर परमात्माक याचाना करचें आवश्यक ना, जर परमात्मान दिलिलो मनुष्य जन्म आपण्यालें मन शांत, बुद्धि सुद्धां निश्चल दवरनुं अनासाक्त कर्म यज्ञकर्म म्हण्णुं केलें तर भक्तालें क्षेम परमात्मालें दायित्व जावनुं परामात्मालें परम पद प्रसदरूपान ताका प्राप्त जातालें.

परमात्मालो अविष्कार अनेक रूपांतु अभिव्यक्त जालिले आशिल्यान साधकान श्रद्धेन उपासना खंयचेंयी रूप आकारांतु केल्यारियी, जरि ती भक्ति, पूजा–अर्चना, ध्यान–धारणा, अराधना योग्य विधि, यम–नियमांक अनुसरून केलिलि नासल्यारियी ति अखेरीक परमात्माकचि पावता – ''येऽप्यन्यदेवताभक्ता यजंते श्रद्धयाऽन्विताः । तेऽपि मामेव कौंतेय यजन्याविधिपूर्वकम् ॥''. परमात्मा सर्व विश्व व्यापून आशिल्यान तागेलि द्रिश्टि आनि समज व्यापक आसता. खंय कोणांलेयी द्रिश्टि आनि समज पावना थंय परमात्मालि द्रिश्टि आनि समज पावता. मनुष्य सर्व विश्व व्यापून नाशिल्यान तागेलि द्रिश्टि आनि समज सीमित आसता, तागेलि द्रिश्टि आनि समज बदलता, आवड–निवड बदलता. देकून खंय तागेलि द्रिश्टि आनि समज आसता थंय तागेलि द्रिश्टि आनि समज मर्यादित आसता. देकून जे ताका दिसता, समजता ते वस्तु–पदार्थावय तो केंद्रित आसता, तें तो पूजता. पुण परमात्मालि पूजा तेन्नांचि सफ़ल जाता जेन्नां तो पूजा म्हण्णुं करचो ना, पूजा आपूण करतां म्हण्णुं मानचो ना. किंबहुना मानचे किंवा ना मानचे हें साधकाले दयित्व न्हंय. कारण मानलें किंवा मानलें ना तरियी जी पूजा करचांतु येता ती कोणांकयी उद्देशून केल्यारियी ती अखेरीक परब्रह्म, परमात्माकचि पावता कारण केवल तोचि सर्व यज्ञकर्मांचो भोक्ता आनि अधिकारी पुरुष आसता – ''अहं हि सर्वयज्ञानां भोक्ता च प्रभुरेव च । न तु मामभिजानांति तत्वेनातश्च्यावंति ते ॥''.

कृष्णान जरी सांगलें किं खंयचेयी देवाक पूजल्यारियी तें अखेरीक ती पूजा केवल परमत्माकचि पावता तरियी तो स्पश्ट करता किं जे परमात्माले अंशरूपान आशिल्ले देवांक, पितरांक, जे स्थूल शक्तींक पूजताचि ते मनुष्य ते ते देवांक, पितरांक, स्थूल शक्तींक पावनुं ते ते देवांले, पितरांले, स्थूल शक्तींले अंशरूपान आशिल्ले सीमित शक्तीक लागून सीमित फ़ल प्राप्त करताचि. पुण पूर्ण परब्रह्म परमात्माले अद्वितीय, विशाल, विराट आनि

व्यापक अस्तित्व पूजतचि ते ताका प्राप्त करनुं तागेलें अद्वितीय, सनातन, शाश्वत, विशाल, विराट आनि व्यापक, स्थान, सान्निध्य, सहवासांतु समावेश जाताचि – ‘‘यांति देवव्रता देवान् पितृन् यांति पितृव्रताः । भूतानि यांति भूतेज्या यांति मद्याजिनोऽपि माम् ’’. तेन्नां जें कर्म करचांतु येता तें यज्ञ–कर्म रूपान परिवर्तन जावनुं निश्चितरूपान संसारांतलें सर्व शुभ–अशुभ कर्मांचे बंधनांतल्यान मुक्त जाता.

कोण कोणांक पूजता, खंयचें तरेन, खंयचें माध्यमंतल्यान करता हें महत्वाचें न्हंय तर खंयचे गुण–स्वभाअवाक आनि प्रवृत्तीक लागून मनुष्य कोणांली पूजा–पाठ, आराधना–अर्चना, ध्यान–धारणा करता तें महत्वाचें आसता. कारण जें विस्वांतु आसा तें सर्व परमात्मालेंचि व्याकृत जालिलें रूप–आकार जावनुं आशिल्ल्यान जें पान, फ़ूल, फ़ल, जल भक्ति, प्रेम आनि अनासक्त भावनेन समर्पण करचांतु येता तें सर्व अव्याकृत परमात्मालेचि रुऊप–आकार परत व्याकृत जालिलें परमात्माकचि समर्पित केलिलें तरेन आसाअ – ‘‘पत्रं पुष्पं फ़लं तोयं यो मे भक्त्या प्रयच्छति । तदहं भक्त्युपहृतमश्नामि प्रयतात्मनः ॥’’. किंबहुना ब्रह्म प्रजापती हें क्जानत आश्ल्यान जेन्नां स्रिश्टि निर्माण कार्य सुरु केलें तेन्नां विश्वांतौ खंयचेयी वस्तुअ–पदार्थ, धन, धान्य, कुष, मंत्र, यज्ञखंब, उपलब्ध नाशिल्यान ताणें विश्वयज्ञ करताना परमात्माले अवयवांचो उपयोग करनुं ते प्रप्त केलें – ‘‘नाविदं यज्ञसंभारान् पुरुषावयवादृते । तेषु यज्ञस्य पशवः सवनस्पतयः कुशाः । इदं च देवयजनं कालश्चोरुगुणान्वितः ॥ ... इति संभृतसंभारः पुरुषावयवैरहम्६६ । तमेव यज्ञं तेनैवायजमीश्वरम् ॥’’.

देकून ब्रह्मप्रजापतीन उदाहरण घालनुं दिलिलें तरेन मनुष्य जें कांय कर्म करता तें यज्कर्म म्हण्णुं भक्तीन पूजा, तप, त्याग करचाक जाय, दान दिवचाक जाय, अनासक्त भावनेन जें प्राप्त जाता तें स्वीकारचाक जाय, परमात्माक समर्पण भावनेन जीवन जगचाक जाय – ‘‘यत्करोषि यदश्नासि यज्जुहोषि ददासि यत् । यत्तपस्यसि कौंतेय तत्कुरुष्व मदर्पणम् ॥’’. ते तरेन केल्यार तो मनुष्य कर्म केलिल्यान जें पाप–पुण्य संभवता तें सर्वां पासून तो मुक्त जावनुं परमात्माक पावता – ‘‘शुभाशौभफ़लैरेवं मोक्ष्यसे कर्मबंधनैः । संन्यासयोगयुक्तात्माविमुक्तो मामुपैष्यसि ॥’’.

वास्तवांतु परमात्मा सर्व व्यापी आसून जें कांय आस ते तागेलें आंस मात्र आनि तागेलेंचि प्रतिबिंब जावनुं सर्व व्यापून आशिल्यान परमात्माक सर्वां प्रति समभाव आसून कोणांलें प्रति ताका प्रीति ना किंवा द्वेश भाव ना – ‘‘समोऽहं सर्व भूतेषु न मे द्वेशोऽस्ति न प्रियः । ये भजंति तु मां भक्त्या मयि ते तेषु चाप्ययम् ॥’’. म्हणचांतु येता किं शिश्ट आशिल्लो मनुष्य दुश्ट जावू शकता, दुश्ट आशिल्लो शीश्ट जावू शकता पुण एक मनुष्यान सर्व काळ दुश्ट किंवा सर्व काळ शिश्ट जावनुं उरचें विरळ आसता. देकून कृष्ण म्हणता किं जर संसारांतु दुश्ट म्हण्णुं समजचाक आयिलें मनुष्यालें मन आनि अंतःकरण परिवर्तन जावनुं परमात्मालि भक्ति करता, तर दुश्ट मनुष्य दुश्ट ऊरचो ना – ‘‘अपि चेत्सुदुराचारो भजते मामनन्यभाक् । साधुरेव स मंतव्यः सम्यग्व्यवसितो ॥’’. दुश्ट जन कृष्णाक अप्रिय नांचि, किंबहुना तागेलें विषय तो चिंतित आसून तागेलें काळजांतु आशिल्लो दुश्ट स्वभाव नश्ट करनुं तांक साधु मनुष्यांलें तरेन तागेलि भक्ति धर्माचें आचरणेंतु हाडचाक तो सदा प्रतिबद्ध आसता.

जो मनुष्य परमात्माक पूजचांतु मग्न आसता ताका अध्यात्म विज्ञान प्राप्त जालिलें आसा किं ना म्हण्णुं संभ्रमांतु पडचें आवश्यक ना. कारण नित्य निरंतर परमात्माक पूजचांतु मग्न जावनुं आशिल्यान तागेलें अंतःकरणांतु ज्ञानाचे स्रोत सदा प्रवाहित जायत आसत. किंबहुना खंय परमात्मालें रूपमैश्वर्याचो प्रकाश पसरिलो आसता थंय परमात्मालो भक्त केन्नांयि अज्ञानाचे अंधःकारांतु आसचो ना. ज्ञानोदय जालिल्यान ताका सूर्य उदयाक आयला किं ना म्हण्णुं पोळोवचें पडना, कारण तागेलें दोळे सदा सहज उघड आसून तो जागरूक आसता. खंय प्रकाश आसता थंय तो सहज जागरूक आसून ताका धर्माचे पालन करचें किंवा अन्य साधना करचि अव्श्यकता ना. कारण कसलोयि श्रम घेतलें शिवाय धर्माचे यम–नियमांचे अनायास पालन जायत आसता. पूर्व सूचनेचि अवश्यकता नासताना तो परमात्मालें व्यापक अस्तित्व जाणता, जाका लागून तागेलो केन्नांयी नाश

जावचें अपेक्षित ना. तो शीघ्रतेन धर्मनुकुल जावनुं आशिल्यान तागेले शाश्वत सुख शांतीचिऐ दायित्व तागेलें न्हंय तर पर्मात्मालें आशता. देकून परमात्माले भक्ताक केन्नांयि विनाश जावचो ना. आकाशांतले असंख्य ढगांचे गडगडाटान सुरु जावनुं अकस्मात् वीज झळकलेले तरेन तागेले अंत:करणांतु प्रकाश पसरनुं ते प्रकाशांतु एक क्षणांतु अनपेक्षित, अचानक, अकस्मात् परमात्मालो साक्षात्कार जाता. तागेलो दुश्ट स्वभाव नश्ट जालिल्यान तो साधु पुरुष म्हण्णुं मानचांतु येवनुं संसाराचे तापत्रयांतल्यान तुरंत मुक्त जातालो आनि तो केन्नांयि नाश जावचो ना – ''क्षिप्रं भवति धर्मात्मा शाश्वच्छांतिं निगच्छति । कौंतेय प्रतिजानीहि न मे भक्त: प्रणश्यति ॥''.

अकस्मात् शरीर पुलकित जातालें, कंठ गद्गद जातालो, दोळ्यांताल्यान आनंदाश्रूचि धार सतत व्हांवतालि, नस नसांतु एक अलौकिक शक्ति संचारतालि, अंत:करणांतु स्पंदन जावनुं संगीताचि सुरवात अनाहत ध्वनि, नादब्रह्माले प्रथम झंकारान जावनुं शब्दांचे माध्यमांतल्यान वातावरणांतु परमात्माले सृजन शक्तीचो प्रवाह सर्व दिशेन पसरतलो. परमात्माले अस्तिवाचि साक्ष फ़ुलांतु, फ़लांतु, फ़ूल आनि फ़लाचे रंगांतु जाणवतालो.

कृष्ण सांगता किं भक्ति मार्गांतु कोणांलोयी प्रयत्न असफ़ल जायना. समाजाचे ऋढीक लागून अध्यात्मिक साधना करचाक जे स्त्री वंचित आसताचि, धनाचे अभिलाषेक लागून परमात्माक समर्पण करचाक जे वैश्य असक्षम आसताचि किंवा जन्म आनि अर्थिक परिस्थितीक लागून जे शूद्र ज्ञान प्राप्त करू शकनांचि ते जर परमात्माक अनन्य भावनेन शरण वताचि तर ते सुद्धां निश्चयान परमगति प्राप्त करताचि – ''मां हि पार्थ व्यपाश्रित्य येऽपि स्यु: पापयोनय: । स्त्रियो वैश्यास्तथा शूद्रास्तेऽपि अयांति परां गतीम् ॥''.

पाश्चात्य धर्मसंप्रदयेचे तरेन वैदिक संस्कृति ''शाश्वत पाप' आनि 'शाश्वत पापी जीवाचि' कल्पना मान्य करना. प्रत्येक जीवाले शरीरांतु आशिल्लो आत्मा शुद्धस्वरूप आनि गुणातीत आशिल्यान तो सात्विक, राजसिक किंवा तामसिक गुणांचे पेलतडेन निष्कलंक, निरंजन, निर्मल, द्वंद्वातीत, शुद्धस्वरूप आसता. देकून मनुष्य जन्माक लागून पापी किंवा पुण्यवान् आसना. प्रत्येक मनुष्यालो जन्म तागेले प्रकृतिज्न्य गुण स्वभाव आनि भूत जन्मांतले अधार्मिक कर्मांक लागून क्षुद्र, संस्कारहीन कुळांतु जावू शकता. देकून जो प्रकृतिज्न्य गुण स्वभाव आनि श्रेयस्कर मानसान केलिले कर्मांक लगून तो पुण्यवान् श्रीमंत, साधु कुळांतु जन्म जावू शकता. प्रप्त करू शकता, – ''प्राप्य पुण्यकृतां लोकानुषित्वा शाश्वती: समा: । शुचिनां श्रीमतां गेहे योगभ्रश्टोऽभिजायते ॥ अथवा योगिनामेव कुले भवति धीमताम् । ऐतद्दि दुर्लभतरं लोके जन्म यदीदृशम् ॥''.

पुण जन्म क्षुद्र, संस्कारहीन कुळांतु किंवा श्रेष्ठ, संस्काराधीन कुळांतु जन्म जालो तर तो जन्म बंधन कारक जावचो ना. कारण वर्तमान जीवनांतु विष्वामित्रा तसले क्षत्रिय जातींतु, वत्सप्रि भालंदन तसले वैष्य जातींतु, वाल्मिकि तसले शूद्र जातींतु, प्रह्लादा सारखे असुर जातींतु, मैत्रेयी, गार्गी तसले स्त्री जातींतु जन्म घेतले तरि प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाक लागून परमात्माले ज्ञान–विज्ञान आनि अनुग्रह प्राप्त करनुं अध्यात्माचे मार्गा वयरचो प्रवास करत श्रेष्ठ आनि संस्काराधीन जीवन जगले.

निर्माण जालिले स्रीश्टींतु कांयी विरोधाभास आसना, विरोधाभास जो दिसता तो मनुष्याले गुण स्वभावाक आनि द्रिश्टिकोणाक लागून आसता. विचार आचरणेंतु प्रतिबिंबित जायत आशिल्यान आचरण महत्वाचें आसता. जे तरेन मनुष्याले विचार आसताचि ते तरेन आसता तागेलें आचरण. सर्व धर्म संप्रदायेचो भार आचरणेवयर आसता, विचारांवयर न्हंय. कित्याक तर आचरण दिसचांतु येताचि, विचार न्हंय. दुश्ट मनुष्याले अचरणे वयल्यान तो दुश्ट म्हण्णु मानचांतु येता. जर तागेलें आचरण साधू तरेन आशिल्लें जरी मनांतु तो दुश्ट भावना धरतालो तरि तो साधु म्हण्णुं मानचांतु येता. पुण भायरचें आचरण सर्व परिस्थितींतु भितरलें मनाचि साक्ष दीना. कृष्णालें वचनांतु विरोधाभास कदाचित् दिसतालो. परमात्माक दुश्ट जन कशें प्रिय आसताले? पुण तागेले वचनांचो यथार्थ समजलो तर तागेलो आशय स्पश्ट जातालो. जेन्नां संसारांतले सामाजिक व्यवस्थेक लागून मागशीं पडिल्ले स्त्री, वैष्य, शूद्र परमात्मालें परम पद प्राप्त करूं शकताचि तेन्नां ज्~आन–विज्ञानान परिपूर्ण सक्शम आशिल्ले ब्रह्मज्ञानी क्षत्रियांक कित्याक मुक्ति मेळचि ना? – ''किं पुनर्ब्राह्मणा: पुण्या भक्ता राजर्षयस्तथा

। अनित्यमसुखं लोकमिमं प्राप्य भजस्व माम् ॥''. देकून अर्जुनान हे अनित्य सुखा दिवचे संसारांतुअ जन्म घेतल्यारियी आतां परमात्माले बरोबर भक्तियुक्त जावचें आवश्यक आसा.

कृष्णान पयलेंचि सांगल्या किं जो कोण ताका शरण वता ते भक्तांक तो केन्नांयि त्याग करना. देकून प्रत्येक साधकान आपण्याले मन परमात्मा बरोबर संलग्न, संयोजित करका, तागेले प्रति ऐकत्वभाव मेळोवका, ताका शरण वचका. हे तरेन तागेले विशय चिंतन करनुं, मन तागेले प्रति जोडिल्यान तो नि:संशय तागेले सान्निध्य प्राप्त करतालो – ''मन्मना भव मद्भक्तो मद्याजी मां नमस्कुरु । मामेवैष्यसि युक्त्वैवमात्मानं मत्परायण: ॥''.

०००००



# *अध्याय धाव्वो*
# *विभूति योग*

जीवन म्हळयार गणीतांतलि एक समस्या न्हंय जी थोडे श्रम घेतिल्यान सोडोवचांतु येतालि. जीवन एक गूढ रहस्य आशिल्यान सहज समजचें सर्व सामान्यांक शक्य जायना. संसारांतु इंद्रियांक ज्ञात आशिल्लें थोडें आनि अज्ञात आशिल्लें जास्त आसल्यारियी जें अज्ञात आसा तें श्रम घेतिल्यान काळांतरान इंद्रियांक ज्ञात जावूं शकता. पुण इंद्रियांचे पैलतडेन आशिल्लें अज्ञेय गूढ रहस्य इंद्रियांचे माध्यमांतल्यान जाणचाक जायना. इंद्रियांचे पैलतडेन आशिल्लें गूढ रहस्य उपलब्धि जावू शकना, कारण गूढ रहस्य साक्षात्कारान केवल अंत:करणांतु अनुभवचो आसता.

मनुष्याक स्थूल इंद्रियांचे माध्यमांतल्यान सूर्याले प्रकाशांतु स्रिश्टींतले वस्तु–पदार्थ दिसताचि पुण सूर्य किंवा सूर्यालो प्रकाश दीसना. मनुष्याक स्थूल इंद्रियांचे माध्यमांतल्यान स्थूल वस्तु–पदार्थ ज्ञात आसताचि पुण वस्तु–पदार्थांतु अंशरूपान प्रस्थापित जावनुं आशिल्लें गूढ नाम–तत्व इंद्रियांचे झगझगचे आकर्षणाक लागून अज्ञात आसता. देकून उपनिषदांतले एक ऋशीन सूर्याले भांगराचे आभरणान जशें झगझगचे स्थूल किरणांचे आकर्षणाक लागून सूर्यालें अध्यात्मिक सत् स्वरूप गूढ नाम–तत्वाचें रूपमैश्वर्य अज्ञात आशिल्यान सूर्याले किरणं कवटाळून दवरचाक पूषन् देवाक – ''हिरण्मयेन पात्रेण सत्यस्यापिहितं मुखम् । तत् त्वं पूषन्नपावृणु सत्यधर्माय दृश्टये । पूषन्नेकर्षे यम सूर्य प्राजापत्य व्यूह रश्मीन् । समूह तेजः यत्ते रूपं कल्याणतमं तत्ते पश्यामि ॥'' म्हण्णुं प्रार्थना केलिलि आसा. पुण अवश्य स्वीकारचाक जाय किं संवेदनशील ऋशींक सूर्याले अज्ञात अध्यात्मिक रूपमैश्वर्य पूषन देवाले प्रसादरूपान प्राप्त जाल्यरियी ते लौकिक भाशा आनि शब्दांतु सामान्य जनां खातिर निरूपण करचाक साध्य जावचें ना – ''यतो वाचो निवर्तंते । अप्राप्य मनसा सह । आनंद ब्रह्मणो विद्वान् ॥''.

अर्जुन नि:संशय मनुष्याले पातळीवयल्यान प्रश्ने विचारता. कृष्ण नि:संशय परमात्माले पातळीवयल्यान प्रश्न्यांचे उत्तर दीत आसता. अर्जुनाले मन खंडित असून अपूर्ण भरिले कळश्यातरेन अस्थिर आसता. कृष्णालें मन अखंडित असून पूर्ण भरिले कळश्यातरेन स्थिर, स्वस्थ, स्तब्ध, शांत आशता. देकून अर्जुनाले प्रश्ने तृटक आसून अनेक विशयांवयर, अनेक शब्दांतु, अनेक तरेन विचारचांतु येताचि. कृष्णाले उत्त्रांतु प्रथदर्शनी दिसले ना तरियी सखोल नियाळनुं पळयल्यार एक अखंड संतुलन, समत्व तेचि तरेन विशाल व्यापकता जाणवता. खंडित, अस्थिर, असंतुलित अशांत मन विशाल व्यापकता कशें मापू शकतालि? स्वच्छंद, अनियंत्रित, अस्थिरतेन व्हांवचे नदीचो प्रवाह सागराचे विशाल, विराट, व्यापक, सखोलतेचें मापदंड कशें आसू शकतालो? जो मनुष्याक भितर अंत:करणांतु परमात्माले अव्याकृत अस्तित्वाचो अनुभव ना ताका भायर स्रिश्टींतु परमात्माले व्याकृत जालिले अस्तित्वाचो अनुमान कश्शें आसतालो? ज्ञान–विज्ञानान परिपूर्ण जालिले ऋशि सांगताचि किं जो मनुष्य परमात्माले अव्याकृत निराकार अस्तित्व जाणता ताका परमात्माले व्याकृत जालिलें सर्व विश्व जाणचांतु येतालें – ''येनाश्रुतं भवत्यमतं मतविज्ञातं विज्ञातमिति ।''. कारण जे शक्तीक लागून सर्व स्रिश्टी आनि प्रजा

जन्माक येता, सृजन, संरक्षण पावता आनि अखेरिक अंत समयाक समावेश जाता तें शक्तीचि ओळख कदाचित् ते शक्तीकचि आसतालि.

देकून जे तरेन सूर्यालें स्थूल गोलक, प्रकाश, किरणांक माध्यम करनुं सूर्यालें सूक्ष्म अध्यात्मिक अस्तित्व समजचें आसता, ते तरेन स्रिश्टींतले रूप–आकार, शास्त्रांतले शब्द, संकेत, प्रतीकांक माध्यम करनुं परमात्मालें सूक्ष्म अध्यात्मिक असित्व, रूपमैश्वर्य समजचें आसता. जो मनुष्य स्रिश्टींतु आपूण आनि स्रिश्टींतले वस्तु–पदार्थ एकमेकां पासून वेगळे आनि आपूण आनि स्रिश्टींतले वस्तु–पदार्थ परमात्मा पासून वेगळे म्हण्णुं समजता तो स्वतः आनि स्रिश्टींतले वस्तु–पदार्थांक परमात्माले पासून वेगळो करता, जे वास्तवतेचें विपरीत आसता. असलो मनुष्य व्याकृत जालिलि स्रिश्टींतु द्वंद्व अनेक रूप, आकार पळयत, ते अनेक रूप, आकारांतु आशिल्लें परमात्मालें अद्वितीय अव्याकृत सूत्र पळयना. असलो मनुष्य अनेक रूप, आकाराचे देव–देवतेंक पूजता, अनेक रूप, आकाराचे देवळाक वता, अनेक रीत रिवाजाचे यम–नियम पालन करता, अनेक शास्त्र, संप्रदाय, परंपरेक अनुसरत जे एक सुलभ, सरळ, स्वाभाविक आशता तें अनेकांतु विभाजन करता. किंबहुना तो मूळांतु निराकार परमात्माक शोधत नासताना परमात्माले अनेक प्रतीक, प्रतीमा, शास्त्र, संप्रदाय आनि परंपरा शोधत आसता. कारण संसारांरु ताका द्वंद्वांतले एक शोधचि सवय जालिलि आसता. पुण निराकार परमात्माले दर्शन जावचें आसल्यार परमात्माले तरेन निराकार, विराट, विशाल, व्यापक द्रिश्टि आसचाक जाय, तेन्नांचि तो परमात्माक निदर्शन करचे सीमित आकारान आकृष्ट जायनासताना आकाशाचे तरेन दिसचे – गगन सदृशं – कृष्णाले स्थूल शरीरांतु सुद्धां दर्शन जातालें.

परमात्माले परम वचन 'अव्यय योग' निरूपण जावचे प्रक्रियेंतु अन्य धर्म संप्रदायेंतु आनि भारतीय धर्म संप्रदायेंतु मूळभूत अंतर आसा. अन्य धर्म संप्रदायेंतु जेन्नां परमात्माले परम वचन दुर्बोध जाता तेन्नां तें निरुपण करचाक परमात्मा स्वतः अवतरता ही कल्पना मान्य नाशिल्यान परमात्मा एक विशिश्ट मनुष्याक प्रेषित, माध्यम म्हण्णुं तें परम वचन प्रस्थापित जाता म्हण्णुं स्वीकारचांतु येता. ताजे विपरीत भारतीय धर्म संप्रदायेंतु जेन्नां संसारांतु इंद्रियांचे प्रभावाक लागून मनांतु अज्ञान निर्माण जाता आनि ताका लागून सनातन 'अव्यय योग' दुर्बोध जाता तेन्नां तो 'अव्यय योग' शुद्ध स्वरूपांतु परत निरूपण करचांतु येता तेन्नां निरुपण करचाक सामान्यतः परमात्मा स्वतः अवतरता म्हण्णुं मानल्यारियी निरूपण करचे एक वा दुसरे विशिश्ट स्थूल रूप आकाराचे माध्यमाक लागून निराकार, विराट, विशाल, व्यापक आकाशाचे तरेन – गगन सदृशं अनुभव जालिल्यान निरूपण करचें साकार माध्यमांतु निराकार परमात्माले अस्तित्वाचो अनुभव जावनुं तोचि परमात्मलो अवतार म्हण्णुं मानचांतु येता. असले अनेक देव, ऋशि, राजे महा मानवांतु द्वापर युगांतु यादव कुळांतु जन्माक आयिलो देवकिपुत्र कृष्ण आकाशाचे तरेन – गगन सदृशं विराट, विशाल, व्यापक व्यक्तिमत्वचो माहा मानव, द्रश्टा म्हण्णुं परमात्माले भूमीकेवयर निश्चित तीन लोकांतु प्रसिद्ध जालो.

आतां जें कृष्ण अर्जुनाक सांगचो आसा तें देवकीपुत्र म्हण्णुं न्हंय तर परब्रह्म परमात्मालो पूर्ण प्रात्यक्षिक प्रतिनिधीले रूपान – ''भूय एव महाबाहो श्रुणु मे परमं वचः । यत्तेहं प्रियमाणाय वक्ष्यामि हितकाम्यया ॥''. म्हण्णुं निरूपण करत आसता. 'परम वचन' म्हळयार वेदांतले ऋचा श्रवण, वाचन, स्मरण, प्रवचन, व्याख्यान आयकून प्राप्त जावचें ज्ञान न्हंय तर अंतःकरणांतु साक्षात्कारान अनुभविलें विज्ञान आसता. 'परम वचन' निरूपण करचाक नचिकेतान यमधर्मरायक उद्देशुन म्हळ्ळे तरेन – ''वक्ता चास्य त्वादृगन्यो न लभ्यो'' कृष्णा तसलो गुरु कोणियी दुसरो अर्जुनाक मेळचे नांचि. कारण 'परम वचन' प्राप्त करनुं घ्वचाक निरूपण करचो वक्ता आनि श्रवण करचो श्रोता श्रद्धेन मनाचें आनि अंतःकरणाचे द्वार पूर्ण तरेन उघड दवरनुं सम–समान पातळी वयर गूढ आनि रहस्याचो अनुभव प्रसाद रूपान प्राप्त करचें आवश्यक आसता.

ज्ञान–विज्ञानान परिपूर्ण आशिल्लो साक्षात्कारी पुरुष निरूपण करताना भौतिक पातळीवयर वापरचांतु येवचे शब्दांचे प्रतीक, संकेत, उदाहरणांचे महत्व तितलें दीना जितलें महत्व तो ते शब्द, प्रतीक, संकेत,

उदाहरणांक लागून गूढ तत्व सूचित करचांतु येता. स्वामि समर्थ रामदास परत परत म्हणताचि – ''सार शोधून घ्यावें । असार तें जाणोनि त्यागावें । या नांव श्रवणणक्ति ॥'', ''प्रगट तें जाणावें असार । आणि गुप्त तें जाणावें सार । गुरुमुखें हा विचार । उमजों लागें ॥ जें उमजेना तें उमजावें  जें दिसेना तें पाहावें । जें कळेना तें जाणावें । विवेक बळें ॥'', ''शब्दं करिता कळे अर्थ । अर्थ पाहतां शब्द व्यर्थ ।  शब्द सांगे यें यथार्थ । परि आपणा मिथ्या ॥ शब्दाकरिता वस्तु भासे । वस्तु पाहतां शब्द नासे । शब्द फ़ोल अर्थ असे । घनवटपणें ॥ ... भूसां करिता धान्य निपजे । धान्य घेऊन भूंस टाकिजे । तैसें शब्द भूंस जाणिजे । अर्थ धान्य ॥ ... शब्द बोलोनि राहे अर्थ शब्दापूर्वीच आहे । या कारणें न साहे । उपमा तया अर्थासी ॥''. जर लक्ष्य प्राप्त जालें तर प्रतीक, संकेत, उदाहरण पिकिले पानां तरेन निरर्थक जावनुं गळनुं पडताचि. पुण साधारण भौतिक पातळीवयर वावुरचो मनुष्य अंतिम लक्ष्य प्राप्त जालिले नाशिल्यान तो अश्वत्थाचे पसरिले फ़ांदे आनि पानं पोळोवनुं सुखावताना अश्वत्थाचि मूळपाळ – स्त्रोत पळयना.

वास्तवांतु देवकी पुत्र नंद नंदन कृष्णाले आकर्शक रूप पोळोवनुं साक्षात् परब्रह्मस्वरूप कृष्णाले अध्यात्मिक रूपमैश्वर्य पोळोवचाक देव आनि ऋशि सुद्धां सक्षम जायनांचि म्हण्णुं कृष्ण सांगता – ''न मे विदुः सुरगणाः प्रभवं न महर्षयः । अहमादिर्हि देवानां महर्षीणां च सर्वशः ॥''. जे तरेन सूत अनेक मणींक एकत्रित बांधून दवरता ते तरेन परमात्माचि स्रिश्टींतु व्याकृत जालिले सर्व चेतन–अचेतन कण–कणांक बांदून आनि सर्व स्रिश्टि व्यापून दवरता. पुनः जे तरेन मणि पळयिल्यान ते मणींक गुंथचाक वापरचि सूत दिसना आनि सूत पोळोवचें आसल्यार मणि एक बाजून करचाक जाय ते तरेन कृष्णालें भौतिक पातळीवयले जीवन पळयिल्यान कृष्णालें अध्यात्मिक त्रिकालातीत, अव्याकृत, सनातन रूपमैश्वर्य दीसना आनि पोळोवचें आसल्यार कृष्णालें भौतिक पातळीवयलें व्यक्तिमत्व किंचित् बाजून करचें आवश्यक आसता. मंदिरांतले देवांले दर्शन घेवचें आसल्यार मंदिराचे वास्तूवयले लक्ष्य विसर्जन करनुं देवाले प्रतिमेवयर केंद्रित करचाक जाय. लक्ष्य देवाले प्रतिमेवयर केंद्रित केल्यार एक किंवा दुसरें मंदिर वेग–वेगळें आसाल्यारियी, प्रतिमा आनि प्रतिमेचो आकार वेग–वेगळे आसल्यारियी ऐक मंदिरांतले प्रतिमेंतु अभिव्यक्त जावचो देव अनि दुसरे मंदिरांतले प्रतिमेंतु अभिव्यक्त जावचो देव एकचि परब्रह्म परमात्माले वेग–वेगळे रूपं, प्रतीकं म्हण्णुं  जाणवतालें. दैवी अंशान देव वेग–वेगळे अशें दिसल्यारियी ते परमात्माले एकचि स्रोतांतल्यान उत्स्फ़ूर्त जालिल्यान जे अंशाक प्राप्त जालिलें आसा तें पूर्ण स्त्रोत रूपान आशिल्ले परमात्माले पासून प्राप्त आलिलें आसा. देकून जें अंश रूपान एक देवांतु आसा तें पूर्ण रूपान परमात्मांतु आसा. देकून एक मंदिरांतु किंवा दुसरे मंदिरांतु वचून एक देवाक किंवा दुसरे देवाक पूजा–पाठ, नामस्मरण–संकीर्तन, नमस्कार केल्यारियी ते सर्व विधि केवल अद्वैतरूपान निराकार परमात्माकचि पावताचि.

जे जन कृष्ण अजन्मा, सुरवात किंवा अंत नाशिल्लो, सर्व लोकांचो अधिपति, साक्षात् परमात्मा म्हण्णुं जाणून पूजताचि ते निश्चित रूपान सर्व दोश आनि अवगुणांचे मोहांतल्यान मुक्त जावनुं संसारांतलें जीवन जगताले – ''यो मामजमनादिं च वेत्ति लोक महेश्वरम् । असंमूढः स मर्त्येषु सर्वपापैः प्रमुच्यते ॥''.     ''पार्थ तू मुझको न जानता । न जानो तो  मै यह कहता । अजी ! मैं जो यहां जहूं बोअता । मानो ब्रह्मांड ही है ॥ अजी ! गर्भ जो है उदरका । नहीं जानता पय माताका । वैसे ही ज्ञान– जान देवोंका । मेरे विषयमें ॥ जलचरोंको सागरका भान । गुरुगुरेको जैसा है गगन । वैसा ही महर्षीयोंका ज्ञान । मेरे विषयमें ॥''. ''भलि भांति यहां रहकर । स्व–प्रकाशमें ही जानकर । देखता आजत्व जो प्रखर । मेरे नयनोंसे ॥ मैं हूं अनादिसे पर । सर्वलोक महेश्वर । मुझको ऐसा जो नर । जानता है ॥ ... रूपमें है वह मानुष । देखनेमें अन्य सदृश । न स्पर्शते प्रकृति दोश । उसको क्भी ॥ ... होना यदि मेरा ज्ञान । ऐसा चाहता है मन। मैं कैसा हूं यह जान । तथा मज्जन्य वस्तु ॥ सभी है मेरे ही विकार  भूत मात्रके रूप धर । फ़ैले है त्रिलोकमें भर । धनंजय ॥'' (ज्ञानेश्वर).

सामान्य मनुष्य वर्तमान काळांतु जी परिस्थिति आसता ती पळयना, पळयल्यार तें परिस्थिती वयर विचार करना, विचार केल्यार जें करचें आसता, तें करना. जेन्नां मन खंय आसचाक जाय थंय आसना, खंय आसचें न्हंय, थंय आसता, जें मेळना तें मेळना म्हण्णुं असंतुश्ट, जें मेळता तें मेळियान असमादानी, जें अस्तित्वांतु ना किंवा आसा ताका लागून स्वप्नमय जगांतु रमण करत आसता. असले मनुष्यालें मन इंद्रियांचे प्रभावाक लागून अस्थिर किंवा स्थिर आसना. देकून इंद्रियान प्राप्त जावचें सुख आनि समाधान वर्तमान काळांतु भोगचें आनि परमात्मले स्मरण, श्रवण, चिंतन, मनन, ध्यान–धारणा भविश्य काळांतु ढकलता. पुण श्रवण, चिंतन, मनन, ध्यान–धारणा वर्तमान काळांतूचि करचो आसता, भविष्य काळांतु न्हंय.

ज्ञानी मनुष्य जाणता किं परमात्मा म्हळयार आकाशांतु निवास करनुं आशिलो कोनी एक महा मानव न्हंय तर व्याकृत जालिले स्रिश्टी व्यापून स्रिश्टींतु व्याकृत जालिले प्रत्येक कण–कणांतु अंशरूपान मुसमुसचि दैवी सृजन शक्ति आसा. पुण प्रत्येक कण–कणांतु अंशरूपान आशिल्लें परमात्माले अस्तित्व किंवा परमात्मालो अनाहत नादब्रह्म श्रवण करचाक मनुष्यालें मन आनि अंत:करण स्थिर आनि शांत आसचें आवश्यक आसा. स्थिर मनाचो मनुष्य आपण्याले अस्थिर मनांतल्य्लान सर्व इच्छा, कामना विसर्जन करनुं चिंतन, मनन, ध्यान–धारणा करनुं तागेलें मन योगांतु परिवर्तन करता. जें मेळना तें मेळना म्हण्णुं असंतुश्ट आसना, जें मेळता तें मेळियान संतुश्ट आसता.जाका लागून परमात्मालो विभूतियोग प्राप्त जावचाक सक्षम जाता. स्थिर आनि शांत जालिले मन आनि अंत:करण श्रद्धेन उघड दवरनुं परमात्मालो अनाहत नादब्रह्म श्रवण, चिंतन, मनन, ध्यान–धारण वर्तमान काळांतु करनुं वर्तमान काळांतूचि परमात्माले बिंब मन आनि अंत:करणांतु प्रतिबिंबित जावनुं अनुभवचो आसता.

मन आनि अंत:करणांतु परमात्माले बिंब प्रतिबिंबित जावचाक उपयोजतेक आवश्यक आसचि सादनं परमात्माले पासूनप्राप्त जालिलें आसाचि – ''बुद्धिर्ज्ञानमसंमोह: क्षमा सत्यं दम: शम: । सुखं दु:खं भवोऽभावो भयं चाभयमेव च ॥ अहिंसा समता तुश्टिस्तपो दानं यशोऽयश: । भवंति भावा भूतानां मत्त एव पृथग्विधा: ॥'' म्हणुं कृष्ण वितारान सांगत आसता. 'बुद्धिर्ज्ञानमसंमोह:' – जेन्नां मन अस्थिर आसता तेन्नां मनांतु खळबळ उठत आसता. देकून परमात्मले बिंब मन आनि अंत:करणांतु प्रतिबिंबित जावचे आसल्यार मन आनि अंत:करण तरंग नाशिल्ले शांत सरोवरातरेन आसचाक जाय. असंमोह म्हळयार मन मोहाक लागून अस्थिर जावचे पासून जागरूक आसचें. जीं साधनं परमात्मान प्राप्त करनुं दिलिलिं आसाचि ती पूर्ण तरेन सफ़ल तेन्नांचि जातालिं जेन्नां साधकाले  मन आनि अंत:करणांतु निर्मण जालिलि अस्थिरता आनि अशांतता ध्यान–धारणेंतल्यान विसर्जन जवनुं थंय परमात्माले बिंबाचे प्रतिबिंबाचो साक्शात्कार जातालो.

स्थिर, शांत जालिले मन आनि अंत:करणांतु क्षमा, सत्य, दम, शम, सुख, दु:ख, भय आनि अभयाचे भाव जन्माक येताचि. तेचि तरेन अहिंसा, सम द्रिश्टि, समाधान, तप, दान, यश आनि अपयश हे सर्वांचो भाव संतुलित जावनुं प्रवाहित जाताचि. असले सात्विक प्रवृत्तीचे मूर्तस्वरूप अविष्कार म्हळयार सप्त ऋशी आनि चार युगप्रवर्तक मनु आसून स्रिश्टींतु जी प्रजोत्पत्ती आसा ती तांका लागूनचि आसाचि – ''महर्षय: सप्त पूर्वे चत्वारो मनवस्तथा । मद्भावा मनसा जाता येषां लोक इमा: प्रजा: ॥''. परमात्माले अव्यययोगाचे मूळ तत्व जे योग सामर्थ्यान जाणताचि ते परमात्माले शाश्वत, अविचल, अक्षय आनि अव्यय अस्तित्वांतु नि:संशय एकरूप जाताचि – ''एतां विभूतिं योगं च मम यो वेत्ति तत्वत: । सोऽविकंपेन योगेन युज्यते नात्र संशय: ॥''. ''इसीलिये सुन तू पार्थ । ब्रह्मादिसे चींटि पर्यंत । बिना मेरे दुसरी बात । नहीं है विश्वमें ॥ ऐसे जो जानता यथार्थ । ज्ञान बोधसे जागृत । उसे नहीं दुस्वप्न द्वैत । उताम–मध्यमादिक ॥ मै तथा मेरी विभूति । और विभूति व्याप्त व्यक्ति । एक है यह प्रतीति । करता वह ॥'' (ज्ञानेश्वर).

भगवद् गीतेंतु कृष्णान दिलिलो संदेश हो परमात्मान दिलिलो धर्म आसा म्हण्णुं सनजून जो मनुष्य गीतेंतले  श्लोकांचो शब्दार्थ आयकून, वाचून पठन करता तो  कृष्णाले बाह्य भौतिक आकाराचें रूपमैश्वर्यान

प्रभावित जावनुं रमण करचांतु व्यस्त आशिल्यान तो श्लोकां मागशीं आशिल्लें गूढ रहस्य – सनातन अव्यय योग आत्मसात् जावचाक असमर्थ आसतालो. पुण जेन्नां तो कृष्णालें बाह्य भौतिक रूपमैश्वर्यान झांकिल्लें परमात्मालें अध्यात्मिक निराकार ब्रह्म तत्वाचे चिंतन, मनन, ध्यान–धारणा करतालो तेन्नां ताका कृष्णालें सच्चिदानंद स्वरूपमैश्वर्याचो पूर्ण, जीवंत आनि जाज्वल्य अविष्कार – ''अहं सर्वस्य प्रभवो मत्तः सर्वं प्रवर्तते । इति मत्वा भजंते मां बुधा भावसमन्विताः ॥'' म्हण्णुं साक्षात्कार जातालो.

सहस्र मनुष्यांतले जो कोण – ''मच्चित्ता मद्गतप्राणाः बोधयंतः परस्परम् । कथयंतश्च मां नित्यं तुश्यंति च रमंति च ॥'' म्हण्णुं मन आनि अंतःकतणान परमात्मालो वयर निष्ठेन प्रस्थापित करनुं परमात्मालो विषय नित्य निरंतर नाम–स्मरण, मनन–चिंतन करता ताक परम्त्मा बुद्धियोग प्राप्त करनुं दिता, जसका लागून तो अज्ञानाचे काळोखांतलयान ज्ञान–विज्ञानाचे प्रकाश अनुभवता – ''तेषां सततयुक्तानां भजतां प्रीतिपूर्वकम् । ददामि बुद्धियोगं तं येन मामुपयांति ॥ तेषामेवानुकंपार्थमहमज्ञानजं तमः । नाशयाम्यात्मभावस्थो ज्ञानदीपेन भास्वता ॥''.

संसारांतले असामान्य संवेदनशिल जन शास्त्रांतु निरूपण केलिलें निराकार परमात्मालें अध्यात्मिक ब्रह्म तत्वाचें ज्ञान–विज्ञान श्रवण चिंतन, मनन, ध्यान–धारणा करनुं संपादन करनुं परमात्माले अभिव्यक्त जालिले स्रिश्टींतु साकार रूप पळयता. आनि संवेदनशील नाशिल्ले जन परमात्मालें साकार रूप दूर आकाशांतु, देवळांतले प्रतिमेंतु शोधनुं पूजा–पाठ, अर्चन, स्मरन, भजन, संकीर्तन करनुं परमात्मालेम् निराआर रूपमैश्वर्य प्राप्त करचाक प्रयत्न करत आसता. अन्य जन संसारांताले विशिश्ठ मनुष्यांले, साधु–संतालें असामान्य बुद्धिमत्ता आनि अलौकिक कर्तुत्वान प्रभावित जावनुं तांका परमात्मालो अवतार म्हण्णुं माननुं तांका फूजत आसताचि. द्वापर युगांतु जन्माक आयिलें कृष्ण असलो एक् प्रतिभावन् मानव आशिल्लो जो तागेले असामान्य बुद्धि आनि कर्तुत्वाक लागून ज्ञानी जन आनि सामान्य जनांतु साक्षात् परमात्मालो वतार म्हण्णुं मानचांतुअ आयलो.

अर्जुन ताका अपवाद नाशिल्लो, कृष्णाले बरोबर केलिले संवादांतल्यान ताका निश्चित जालिलें आसा किं तागेलो मित्र, सखा म्हण्णुं मानचांतु आयिलो कृष्ण ''परं ब्रह्म परं धाम पवित्रं परमं वच । पुरुषं शाश्वतं दिव्यमादिदेव्मजं विभूम् ॥'' आसा. शिवाय कृष्णालें माहात्म्य तीन लोकांतु महामानव म्हण्णुं नारद, असित, देवल, व्यास असले महापुरुषांले कडचान ताणें आयकलिलें आसा – ''आहुस्त्वामृषयः सर्वे देवर्षिर्नारदस्तथा । असितो देवलो व्यासः स्वयं चैव ब्रवीषि मे ॥''. देकून कृष्ण परमात्मालो एक पूर्ण आनि प्रभावी माध्यम म्हण्णुं मान्य केल्यारियी भौतिक पातळीवयर कृष्णाले प्राकृतिक स्थूल रूपांतु तणें केलिलें कर्म, कर्म करताना घेवचो श्रम, श्रमाक लागून थकचें, विश्राम घेवचें, भूख तहानेक लागून जेवण घेवचें, ल्हान आसतानां गोकुळांतु गोरवंक सांभाळचें, गोपीं बरोबर रासक्रीडेंतु रमचें, सुदामाक ताणें धन आनि द्रौपदीक आश्रय दिवचें, कंसाक मारचें, कालयवनाक फ़सोवनुं मृत्यूचे मुखांतु ढकलचें, एक न एक तरेन आपण्यालि शक्ति मनुष्या तरेन समय काळानुसार वापरचें पळयिल्यान अर्जुन – ''सर्वमेतदृतं मन्ये यन्मां वदसि केशव । न हि ते भगवन् व्यक्तिं विदुर्देवा न दान्वाः ॥ स्वयमेवात्मनाऽऽत्मानं वेत्थ त्वं पुरुषोत्तम । भूतभावन भूतेश देवदेव जगत्पते ॥'' म्हण्णुं मान्य करता.

ध्यानांतु दवरका किं अयज पर्यंत अर्जुन कृष्ण तागेले पासून वेगळो म्हण्णुं मानत आयला आनि तो अजून कृष्ण वेगळो म्हण्णुं समजत आसा. जे कोणांक साक्षात्कार जालिलो आसा तांका दुसर्यालें साक्षात्काराचि साक्ष नाका. पुण जेन्नां साक्षी रूपान स्वतः कृष्ण साक्षात् परमात्मा म्हण्णुं उपलब्ध आसा तेन्नां परमात्मा विशय उलोवचाक विंगड कोण जावका ? किंबहुना परमात्मा विशय दुसरे कोणिंयी व्याख्या केल्यार तें पूर्ण सत्य जावचें ना, पुण साक्शात् परमात्मा म्हण्णुं सर्व मान्य जालिले कृष्णान ते विशय वक्तव्य केले तर तांतूत कांयी उणें निश्चित आसचे ना.

अर्जुनाक कृष्णान स्वतः आपण्याले अध्यात्मिक सत्या विशय सांगिल्लें आसा. तरियी भौतिक पातळीवयलें कृष्णालें कार्य समजिलें नाशील्यान तागेलें कार्य परमात्मालि माया किंवा लीला म्हण्णुं माननुं

परंपरेक लागून तागेलें वर्णन करत आसा. पुण परमात्मालें अध्यात्मिक पातळिवयलें अलौकिक रूपमैशवर्याचि व्याख्या भौतिक पातळी वयर लौकिक शब्दांतल्यान करचाक अन्य कोणींयि समर्थ आसचे नाशिल्यान अर्जुन मूर्तिमंत परमात्मा जावनुं आशिल्ले कृष्णाकचि – ''वक्तुमर्हस्यशेषेण दिव्या ह्यात्मविभूतय: । याभिर्विभूतिर्लोकानिमांस्त्वं व्याप्य तिष्ठसि ॥ कथं विद्यामहं योगींस्त्वां सदा परिचिंतयन् । केषु केषु च भावेषु चिंत्योऽसि भगवन्मया ॥ विस्तरेणात्मनोयोगं विभूतिं च जनार्दन । भूय: कथय तृप्तिर्हि श्रुण्वंतो नास्ति मेऽमृतम् ॥'' म्हण्णुं विस्तारान निरूपण करचाक सांगता. ''जैसा अपनी विशालता गगन । आपही जानता संपूर्ण रूपेण ॥ .. ऐसे अपनी सर्व शक्ति । जानता तू ही लक्ष्मीपति । यहां वेदादिककि मति । अकडतो व्यर्थ ॥ ... चहूं ओर सरिता सागर भरा । किंतु चातक ब्चारा यहा कोरा । स्वातीका बूंद ही उसका सहारा । वही उसका पानी ॥ वैसे गुरु है सर्वत्र चहूं ओर । किंतु कृष्ण मुझे तेरा ही आधार । रहने दो यह वचन विस्तार । कहो विभूतियोग ॥''. (ज्ञानेश्वर).

जें विस्तारान सांगचांतु येता तें सांगिल्यान वस्तु–पदार्थांचि ओळख प्राप्त जाता पुण वस्तु–पदार्थांचो सखोल ज्ञान–विज्ञानाचो अनुभव प्राप्त जायना. मनुष्यान शास्त्र पठण करनुं ज्ञान प्राप्त केलें म्हण्णुं ताका परमात्मालें अत्यद्भुत गूढ विज्ञान अनुभवचांतु आयलें म्हणचाक जायना. कारण शास्त्र समजचाक संदर्भ, संकेत, उदाहरणांचे उपयोजन जाता, पुण परमात्मालें अध्यात्म अनुभवचाक तीक्ष्ण संवेदन शक्ति आवश्यक आसता. संसारांतु नीच कुळांतु जन्म घेतिल्यांले कालजांतु परमाले विशय तीक्ष्ण संवेदना जागी जालि तर विलंब लागत नासताना तांगेलें जीवनांतु परमात्मालें अत्यद्भुत गूढ विज्ञानाचो प्रकश पसरतालो. परमात्मालो साक्षात्कार जावचाक भाशेचे माध्यम म्हण्णुं आवश्यक ना किंवा भाशा बंधन जायना. देकून भूत काळांतु वेग–वेगळे जनांक, काळ–समयाक आनि देश–प्रदेशाल अनुरूप म्हण्णुं वापरिलें भाशेंतलें संकेत जितलें प्रआइत आशिल्लें तितलेचि प्रभावी भविष्य काळांतु सुद्धां प्रभावित जालें, तें भाशेंतलें गुणांक लागून न्हंय तर परमात्मालें अत्यद्भुत गूढ नित्य नूतन अविष्कारांतु अभिव्यक्त जावचें विज्ञानाक लागून आसता.

संसारांतु जेन्नां सर्व सामान्य जन पळयताचि तेन्नां तें वस्तु–पदार्थांचे भायरचो स्थूल आकार पळयताचि, आकाराचो विस्तार पळयताचि, स्थूल आकारांतलें भितर आशिल्लें सूक्ष्म तत्व तांक अदृश्य आसता. कृष्ण सांगता किं जेन्नां संकेत दीवनुं समजावचांतु येता तेन्नां संकेत केंद्र जावचें न्हंय तर तें केंद्रांतलो सूक्ष्म तत्व समजून घेवचें आसता. देकून कृष्ण अर्जुनाक सांगता – ''हंतमे कथयिष्यामि दिव्या ह्यात्मविभूतय: । प्राधान्यत: कुरुश्रेष्ठ नास्त्यंतो विस्तरस्य मे ॥''. उपनिशद सांगता किं भौतिक माध्यमांतल्यान परमात्माक जाणचें कठीण आसता पुण जे तरेन गायिलें वादचिन्हा वयल्यान गायीलो शोध घेवचांतु येता तें तरेन स्रिश्टींतलें वस्तु–पदार्थांचे आधार वयल्यान परमात्मालें व्याकृत जालिलें रूप जाणचांतु येता. पयलें प्रथम केवल अव्याकृत अस्तित्व, सत्य आशिल्लें, जें स्वत: ब्रह्म म्हण्णुं जाणतालें. जे कोण – देव, ऋशि किंवा मनुष्य – जाणताचि किं तें ब्रह्मस्वरूप आसाचि तें ब्रह्मस्वरूप जाताचि. पुरातन काळांतु ऋशि वामदेव जाणतालो किं तो पूर्वजन्मांतु मनु, सूर्य जावनुं आशिल्लो देकून तो ब्रह्मस्वरूप जालो. जो मनुष्य आपूण ब्रह्म स्वरूप आसा म्हण्णुं समजता तो ब्रह्म जाता. कृष्ण सुद्धा सामान्य मनुष्य न्हंय तर घोर अंगीरसाले – 'अक्षितमसि, अच्युतमसि, प्राणसंशितमसि' हे शिखवणीक लागून जीवनांतु परमात्मालि सृजन शक्ति व्यापक, विशाल आनि सखोल जालिलो ब्रह्म जावनुं आसा. देकून कृष्ण आपण्यालें अलौकिक अध्यात्मिक विराट आनि समग्र रूपमैश्वर्याचि झलक दाखोवचाक – ''अहमात्मा गुडाकेश सर्वभूताशयस्थित: । अहमादिश्च मध्यं च भूतानामंत ऐव च ॥'' म्हण्णुं सुरवात करता.

भारतीय परंपरेंतु सौर मंडलाक स्रोत रूपान आनि तें अनुशंगान अध्यात्मिक सूर्याक संसारांतु महात्वाचें स्थान प्राप्त जालिलें आसा. पुण सौर मंडलांतलें अजन्मा, अविनाशी, नित्य, सनातन, विराट, विशाल, व्यापक रूपान आशिल्लें अध्यात्मिक सूर्याचो प्रकाश समस्त ज्योतींतु परमोच्च ज्योतिस्वरूप – ''उद्वयं तमसस्परि

ज्योतिष्पश्यंत उत्तरम् । देवं देवत्रा सूर्यं अगन्म ज्योतिरुत्तरम् ॥'' संसारांतु आकाशांतु दिसचो प्राकृतिक स्थूल आकाराचो सूर्याले तुलनेन अति क्षुद्र आसा. देकून ऋशी सूर्याक तूं महान् आसा, ज्ञानवान् आसा, मार्गदर्शक आसा – ''बण्महां असि सूर्य बळदित्य महां असि । महस्ते सतो महिमा पनस्यतेऽद्ध देव महां असि ॥ बट सूर्य श्रवसा महान् असि सत्रा देव महां असि । महान् देवानामसूर्य: पुरोहितो विभु: ज्योतिरदाभ्यम् ॥'' म्हण्णुं वार्णन करता. ''ओम भू: भुव: स्व: तत् सवितुर् वरेण्यम् । भर्गो देवस्य धीमहि धियो यो न: प्रचोदयात् ॥'' म्हण्णुं ऋषि विश्वामित्रांनिं सविता सूर्याले ज्ञान–विज्ञानाचें परमोच्च प्रतीक, लक्ष्य म्हण्णुं स्तवन करता. ऋशिन सौरमंडलांतले सूर्याक विष्णूलें प्रतीक म्हण्णुं माननुं तागेले आकाशांतले प्रवास प्रात:, मध्याह्न आनि संध्याकाळ, पृथिवि, आकाश आनि आवकाश, भौतिक, अधिदैविक आनि आध्यात्मिक पातळी सृजन, धारण, पोषण, संरक्षण करचि, म्होंवान मधुर जालिलिं, पुश्टिवर्धन करचिं तीन पावलंनि केलि म्हण्णुं कल्पना केलिलि आसा – ''यस्य त्री पूर्णा मधुना पदान्यक्षीयमाणा स्वधया मदंति । य उ त्रिधातु पृथिवीं उत द्यां एको दाधार भुवनानि विश्वा ॥ ... ''त्रीणि पदा वि चक्रमे विष्णोर् गोपा अदाभ्य: । अतो धर्माणि धारयन् ॥''. संवेदनशील ऋशी आपण्याले द्रिश्टी सतेज, तीक्ष्ण करनुं ताका आपण्याले सृजन जालिले अंत:करणांतु पळयताचि– ''तद्विष्णो: परमं पदं सदा पश्यंति सूरय: । दिविव चक्षुरातमम् ।''. इंद्रियांचे माध्यमान अध्यात्मिक सूर्यांले दर्शन जायत नाशिल्यान – ''द्वे इदस्य क्रमणे स्वदृशोऽभिख्याय मर्त्यो भुरण्यति ।'' मनुष्य भ्रमांतु पडता. देकून विष्णूले हें श्रेष्ठ पद जाणून ते श्रेष्ठ देवलो पूजा करचाक जाय – ''अस्य जानंतो नाम चिद् विविक्तन महास्ते विष्णो सुमतिं भजामहे ।''.

निराकार परमात्माले साकार रूपान अदितीले आठ पुत्रांतलो एक पूत म्हण्णुं विष्णूक – ''अश्टौ पुत्रासो आदितेर्ये जातास्तन्वस्परि । देवां उप प्रैत्सप्रभि: परा मार्तंडमास्यत् ॥'' वेदांतले ऋशींनि पळयल्यार महाभारत काळांतु ति संख्या विस्तारित जावनुं मित्र, वरुण, आर्यमा, अंश, भग आदित्य, मार्तांड त्वश्टा आनि विष्णु रूपान बारा जाले – ''धाता मित्राऽऽर्यमा शक्रो वरुण: अंश एव च । भर्गो विवस्तान्पूषा च सविता दशमस्थथा । एकादशास्थथा त्वश्टा द्वादशो विष्णुर्युच्यते ॥''. विष्णु म्हळयार – ''यस्माद् विश्टं इदं सर्वं वामनेन महात्मना तस्मात् स वै स्मृतो विष्णोर् देहो प्रवेशनात् ।'' स्रिष्टि व्यापून आसचो दिव्य पुरुष म्हण्णुं व्याख्या करचांतु आयलो.

ऐतरेय ब्राह्मण ग्रंथांतु विष्णु विशय उलयताना – ''अग्निर्वै देवानामवसो विष्णु: परम: । तदंतरेण सर्वे अन्या देवता: ॥'' म्हण्णुं सांगून विष्णु 'महतो महीयान्' आसल्यार अन्य सर्व देव 'अणोर अणीयान्' म्हण्णुं प्रख्यात जालो. अंतरात्मांतु मदें वामनरूपान ''ऊर्ध्वं प्राणमुन्नयत्यपानं प्रत्यगस्यति । मध्ये वामनमासीनं विश्वे देवा उपासते ॥'' वास्तव्य करनुं आसा म्हण्णुं मानचांतु आयलो. महाभारतांतु शिवान ऋशींक कृष्णालें महात्म्य सांगताना वासुदेव कृष्ण प्रजापति ब्रह्मदेवा पेक्षां श्रेष्ठ आनि अविनाशी, सूर्याले तरेन ज्योतिस्वरूप आसून देवांले संरक्षण करचाक नित्य कार्यशील आसता म्हण्णुं वर्णन केलें. तागेले गर्भांतु ब्रह्मदेव निवास करत आसून शिव स्वत: तागेले शरीरांतु सतत आसता. देकून जे जन शिवाले किंवा ब्रह्मदेवाले दर्शन घेवचाक इच्छा करताचि ताणीं वासुदेवाले दर्शन घेतिल्यान ति इच्छा पूर्ण जाता. वासुदेवालें दर्शन घेतलें नंतर ब्रह्म प्रजापतीलें दर्शन घेतलें ना तरियी कांयी अनर्थ जावचो ना – ''पितामहादपि वर: शाश्वत: पुरुषो हरि: । कृष्णो जांबूनदाभासो व्यभ्रे सूर्य इवोदिता ॥ ... एतस्य देवानाथस्य देवकार्यपरस्य च । ब्रह्मभूतस्य सततं ब्रह्मर्षीशरणस्य च ॥ ब्रह्मा वसति गर्भस्थ: शरीरे सुखसंस्थित: । शर्व: सुखं संश्रितश्च शरीरे सुखसंस्थित: ॥ ... यो हि मां द्रश्टुमिच्छेत ब्रह्माणां च पितामहम् । द्रश्टव्यस्तेन भववान् वासुदेव: प्रतापवान् ॥ दृश्टे तस्मिन्नहं दृश्टो न मेऽत्रास्ति विचारणा । पितामहो वा देवेश इति वित्त तपोधना: ॥''.

श्री मध्वाचार्याले अभिप्रायान विष्णु स्त्रिपुरुषाले संबंधाक लागून जन्म घेना पुण सत् ज्ञानाचो निर्दोश, सद्गुणांचो प्रतीक आनि स्वतंत्र आनि नित्यानंदांतु आसचे ताका दु:ख तें कसलें आसताले – ''स्त्रीपुंसामलैभिर्योगात्मा देहोऽर्विष्णोर्नजायते । किंतु निर्दोशचैतन्यस्वाकां तनूम् । क्व वर्णादि क्व च ज्ञानं

स्वतंत्रचिंत्यसद्गुणैः । कुतो दुःखं स्वतंतस्य नित्यानंदैकरूपिणः ॥''. ''यः प्रादुर्भागो विष्णुः देहादिशु च संस्थितः । स एव मूलरूपंश्च साक्षान्नारायणभिदः ॥ मूलरूपश्च यो विष्णुः प्रादुरभावगदिश्च ॥''. श्री विष्णूचि वासुदेव, हरि आनि नारायण जावनुं आसा – ''भगवान वासुदेवेति परमात्मेति वै हरिः । विष्णुर्नारायणेति ब्रह्मेति शृतयोः जगुः ॥''. देकून वेदांतु नमूद केलिलें देव विष्णूलेचि प्रतिबिंब जावनुं आसाचि – ''नामानि सर्वाण नामविंशति तां वै विष्णु परमा दर्शयंति ॥''. वेद, वेदांत पुराण आनि इतिहास हे सर्वाअविष्णूलें रूपमैश्वर्याचें वर्णन गीत गायत आसताचि – ''वेदे रामायणे चैव पुराणे भारते च । अदवांते च मध्ये च विष्णुः सर्वत्र गीयते ॥''. ''अस्यैः सर्वानामानि व्यतिरिक्तस्य सर्वतः । स स्वतंत्रः सदैवेकः स विष्णुः परमो मतः ॥''.

देकून विष्णु सर्वांक प्रतिपल घेवचें श्वासांतु, रक्ताचें प्रवाहांतु, नस नसांतु, झाडांतु, फ़ूलांतु, फ़लांतु, फ़ातरांतु, व्हांवचें नदींतु, संचारचें वार्यांतु, स्थिर आशिल्लें पर्वतांतु, आकाशांतु, अवकाशांतु सर्व देव, ऋशी मनुपुत्र, मानवांतु भार्गव परशुरामांतु, दाशरथी रामचंद्रांतु, देवकीपुत्र कृष्णांतु, कुंतीपुत्र अर्जुनांतु, सर्व भूतजातींतु व्यापून आसता. देकून कृष्ण आप्प्यालें प्रधान विभूतींचें वर्णन – 'आदित्यानामहं विष्णुः' म्हण्णुं जेन्नां सुरवात करता तेन्नां परमात्मालें प्राथमिक बिंबाचें प्रतिबिंब सूर्य आसून सूर्यालेचि आंशरूपान चंद्र, ग्रह सुद्धां अनेक रूपान, आकारान अनंत दीशेन पसारिलें आकाशांतु पसरलें – ''ज्योतिषां रविरंशुमान् । मरीचिर्मारुतास्मि नक्षत्राणामहं शशी ॥''.

वेद विद्येंतु परमात्मा सामवेदंलें ज्ञान जावनुं आसा – ''वेदानां सामवेदोऽस्मि ।''. वेदविद्या म्हळयार ऋचांचें शाब्दिक संकलन न्हंय तर तें शब्दांतलें सूक्ष्न अध्यात्मिक विज्ञान आसता. परमात्मा अंशरूपान देवांतु इंद्र आसा, इंद्रियांतु मन आसा. मनांतु संग्रह जालिलें अनुभव जेन्नां इंद्रियांक प्रेरित करताचि तेन्नां अंतर्मनांतलि चेतना प्रत्येक इंद्रियाक तांगेलें गुण–स्वभावाक लागून खंयचें अवयवान खंयचें तरेन सृजन आनि कार्यरत जावचें हे निश्चय जरता. एक इंद्रियाक कमिं सामर्थ्य आसल्यार मन दुसरें इंद्रियाक जास्त संवेदनशील करनुं कार्य संपुश्टांतु हाडता.

मन निश्चयान महत्वाचें आसता पुण मनाचें मागशीं स्रोत रूपान आसचो परमात्मालि चैतन्य शक्ति ताजें पेक्षां महत्वाचि आसता. देकून मुखार सरनुं कृष्ण आपूण 'भूतानामस्मि चेतना' म्हणता. मन क्षण क्षणान अनुभविलें विचारांचें संकलन आशिल्यान द्वंद्व विचार मन खंडित करता. चेतना द्वंद्वातीत आशिल्यान मना पेक्षा अधिक तीक्ष्ण, श्रेष्ठ, स्रुजनशील आसता. कृष्ण संगता किं बुद्धींतु बंधिस्त जाय नासताना, विलंब करत नासताना मनाचें पेलतडेन वचून चेतनेक शरण वचका कारण परमात्मा म्हळयार चेतना आसा, जाका लागून मन स्थूल विचार एकत्रित केलेलें संग्रह जावनुं उर नासताना संवेदनशील चैतन्य मनांतलें भौतिक ज्ञान अध्यात्मिक विज्ञानांतु रूपांतरित करता. ज्ञान–विज्ञानांतु रूपांतरित जालिल्यान मनुष्य परमात्मालें साक्षात्कार घेवचाक अधिकार प्राप्त करता.

अव्याकृत अस्तित्व स्रिश्टि रूपान व्याकृत जालें किं ब्रह्मदेवांलें कार्य पूर्ण जाता. देकून संसारांतु ब्रह्म देवालें देवस्थान क्वचित् दिसचांतु येताचि. स्रिश्टी निर्माण केलें नंतर स्रिश्टि सृजन, धारण, पोषण, संरक्षण करचें दायित्व विष्णुलें आसता. देकून विष्णूक पूजा–पाठ, अर्चना–याचना करचाक देवस्थान दिसचांतु येताचि. सर्व साधारण मनुष्य जीवनाचि सुरवात शरीराचो जन्म जालिल्यान आनि जीवनाचो अंत शरीर नाश जालिल्यान जाता म्हण्णुं मानता. संसारांतलें सुख–दुःख भोगत आसताना ताका तागेलें शरीर क्षण क्षणान, अंश अंशान जीर्ण, अशक्त जावनुं अखेरीक नाश जावचें आसा हें मनुष्यालें सतत ध्यानांतु असता. पुण मनुष्य मृत्यु अकस्मात् येता म्हण्णुं जितलो त्रस्त आसना जितलो वर्तमान जीवनांतु प्राप्त जालिलें आप्त–बांधव, धन–संपत्ती, सुख–समाधान शरीर नाश जालिल्यान भोगचाक मेळचें ना म्हण्णुं तो त्रस्त आसता. देकून सर्व स्रिश्टीचो नाश करचाक मृत्यु पेक्षा जास्त समर्थवान् जावनुं आसचें शिवालें देवूळ बांदता, देवळाक वता, जीवनाचि दोरि अकस्मात् काप नाका – ''शतमिन्नु शरदो अंति देवा यदा नश्चक्रा वरसं तनूनाम् । पुत्रासो यत्र पितरो भवंति मा

नों मध्या रीरिषतायुर् यतो ॥'', ''मा नों महांतम् मा नों अर्भकं मा न अक्षंतं उत मा न उक्षितम् । मा नों वधीः पितरम् मोत मातरं मा नः प्रियास् तन्वो रुद्र रीरिषः ॥''

पुण जो मनुष्य अध्यात्म ज्ञान–विज्ञानान परिपक्व आसा तो जाणता किं जे तरेन जन्म जालिल्याक मरण निश्चित आसता ते तरेन मरण पाविल्याक जन्म निश्चित आसता. पुण शरीराचे जन्ममरण निश्चित आस;यारिरी शरीरांतु आसचो आत्मा नित्य, शाश्वत, सनातन, अमृतस्वरूप आसता. देकून आत्माचे अध्यात्मिक विकासा खातिर मनुष्याक शरीर धारण करचें जितलें महत्वाचें आसता तितलेंचि जीर्ण अनुपयोग जालिले शरीर नाश जावचें महत्वाचें आसता. मृत्यु मनुष्यालो शत्रु न्हंय तर मित्र आसता, अंत न्हंय तर एक विश्राम आसता. कृष्ण म्हणता – ''रुद्राणां शंकरास्मि''. देकून अमृतस्वरूप आत्मा पासून न्हंय तर जीर्णावस्थेंतु आशिल्ले अशाश्वत स्थूल शरीराचे बंधनांतल्यान मुक्त करचाक – ''त्र्यंबकं यजामहे सुगंधिं पुश्टीवर्धनम् । उर्वारुकमिव बंधनात् मृत्योर्मुक्षीय मामऋतात् ॥'' म्हण्णुं तो रुद्र देवतेलि प्रार्थना करता.

परमात्मा यक्ष–राक्षसांतलो कुबेर, आठ वसूंतालो अग्नि, पर्वतांतु सुमेरु, पुरोहितांतु बृहस्पति, सैनिकांतु स्कंद, जलाशयांतु सागर, महर्षींतु भृगु जावनुं आसा. 'गिरामस्म्येकमक्षरम्''. अक्षर म्हळयार जें केन्नांयि नाश जाय ना, जें अमर आसता, जें मांडूक्य उपनिशदांतु – ''भूतं भवद्भविष्यमिदिति सर्वमोंकार ऐव । यच्चान्यत्रिकालातीतं तदप्योंकार एव ॥'' म्हण्णुं सांगून त्रिकाळातीत ओंकाराचें निदर्शन केलिलें आसा. ओं म्हळयार मनुष्यान उच्छारचो शब्द न्हंय तर मौनावस्थेंतु अभिव्यक्त जावचो अनाहत नाद आसता, जो नादब्रह्म अ, उ, म हे तीन ध्वनींताल्यान विस्तार जाता.

'यज्ञानां जपयज्ञोस्मि'. जेन्नां मनुष्य संसारांतु कर्म करता तेन्नां ताका कर्मानुसार फ़ल प्राप्त जाता. जर मनुष्य अनासक्त जावनुं लोककल्याणा खतिर आनि परमात्माले प्रीत्यार्थ कर्म आपण्याले प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाक लागून करता तें यज्ञ–कर्म जावनुं ताक बंधनांतु घालना. जें कर्म प्रकृतींतले स्थूल वस्तु–पदार्थ वापरनुं, धर्मान घालनुं दिलिले यम–नियमांक अनुसरून करता ते कर्मा पेक्षा श्रेष्ठ कर्म जें मनुष्य तोंडांतल्यान मंत्रेच्छार करनुं किंवा मौनावस्थेंतु आसून मनांतल्यान मंत्रेच्छारान करचें कर्म यज्ञकर्म जावनुं परमात्माक भावता. देकून यज्ञ कर्मांतु जप यज्ञ परमात्माक समर्पण जावचो एक सर्वांतु सरळ आनि श्रेष्ठ प्रयास जावनुं आसता.

जेन्नां मनुष्य देवळाक वचून घंटा वाजयता किंवा घंटा वाजयत आरति कारता तेन्नां निदिले परमात्माक जागोवचाक न्हंय तर मन भाय्ले अवाजा पासून परावृत्त करनुं परमात्माले प्रतिमेवयर द्रिश्टी आनि ध्यान केंद्रित करचाक आसता. जेन्नां भायल्यान तोंडान उच्छारचो जप आनि विश्वांतले सर्व अनावश्याक कोलाहल बंद जाताचि तेन्नां भितर मन आनि अंतःकरणांतु परमात्माले वास्तव कल्पित करनुं क्षणमात्र स्थिर जालिले शरीरांतले नसनसांतल्यान परब्रह्मालो ओंकाराचो अनाहत नाद परत प्रतिध्वनित, गुंजन जावचाक अवकश मेळता. मनुष्यांले जीवन सृजन आनि कृतार्थ जाता.

सर्व वृक्षांतु श्रेष्ठ आशिले अश्वत्थाले मूळ–पळां तरेन मनुष्याले मन आनि अंतःकरणांतु सखोल भक्ति स्थिर आनि शाश्वत जालें तर कृष्णाले रूपमैश्वर्य जें ''अश्वत्थः सर्ववृक्षाणाम्'' म्हण्णुं वरण केलिलें आस तें समजतालें. पयलें कठ उपनिषदेंतु सनातन परमात्मा परब्रह्माचि तुलना पाळं वयर आनि फ़ांदे, पानं सकयल पसरिले सनातन अश्वत्था बरोबर – ''ऊर्ध्वमूलोऽवावशाखा एषोऽश्वत्थः सनातनः ।'' म्हण्णुं वापारिलि आसून तीचि उपमा कृष्णान नंतर गीतेंतु वापरिलि आसा. अध्यात्मिक परिभाशेंतु वृक्ष म्हळयार बुद्धी, धड म्हळ्यार इंद्रियं, फ़ांदे म्हळयार स्थूल अवयव, पानां इंद्रियांचे विशय आनि फ़ुल्लं अनुभव आसताचि. जेन्नां अश्वत्थाचे सकयल गौतम बुद्ध बशिल्लो तेन्नां ताका ज्ञानोदय जालो. अश्वत्थ परमात्मालें प्रतिभेचें प्रतीक जावनुं आशिल्यान आश्वत्थाचि पूजा भारतीय धर्मसंप्रदायेंतु आनि संस्कृतींतु करचांतु येता. कारण अश्वत्थ जशें आपण्याले फ़ांदे पसरायता तशें परमात्मा आपण्याले प्रभुत्व चारी दिशेन पसरायता. परमात्माले प्रभुत्वाक लागून विश्वांतु ज्ञान–विज्ञानाचो प्रकाश पसरता. गौतम बुद्धाक जे तरेन समग्र ज्ञानाचो अनुभव आश्वत्थाचे सकायल जालो ते तरेन मनुष्यालो अध्यात्मिक

विकास परमात्मालो दृढ अष्वत्थाक लागून थोडे प्रमाणान तरी प्रज्ञेचि झलक अंत:करणांतु अनुभवचें अपेक्षित आशता.

जेन्नां ''देवर्षीणां च नारद:'' – क्रांतदर्शी ज्ञानी ऋशींतु नारद श्रेष्ठ म्हणताना कृष्णाले मनांतु पुराणकारांलें वर्णन कलहाप्रिय नारदमुनि न्हंय तर संसारांतले अज्ञान समूळ उपटून काडनुं थंय ज्ञाना–विज्ञान प्रस्थापित करचाक सक्षम आशिल्लो, जाका शब्दकल्पदृम हे ग्रंथांतु – ''नारं ददाति इति नारद: । नारं परमात्मा विषयकं ज्ञानं ॥'' म्हण्णुं केलिले मेधावी देवर्शी नारद आसता. ब्रह्म ज्ञान–विज्ञानान परिपूर्ण आशिल्यान तो त्रिगुण, त्रिकाळाचो पेल्तडेनत्रिकाल ज्ञानि, त्रिलोक संचारी जावनुं आसा.

परमात्मा गंधर्वांतु चित्ररथ, सिद्ध पुरुषांतु कपिल, अश्वांतु उच्चैश्रवस्, हस्तींतु ऐरावत, मनुष्यांतु राजा, आयुधांतु वज्र, गायींतु कामधेनु. 'प्रजनश्चास्मि कंदर्प:' – प्रजोत्पत्तींतु कामदेव. काम म्हळ्यार मनांतु उत्स्फूर्त जावचि इच्छा आनि कामदेव प्रजेचे उतपत्तीक उत्स्फूर्त जावचि इच्छेचो अधिपतै आसा. कामदेवान मनांतु प्रजोत्पत्तीक इच्छा निर्मणा केले शिवाय जन्म जावचो ना. स्रिश्टी निर्माण जावचें पयलें प्रजापतीले मनांतु सुद्धां स्रिश्टि निर्माण करचाक काम, इच्छा उत्पन्न जालिलि – ''सोऽकामयत द्वितीयो म आत्मा जायेतेति; स मनसा वाचं मिथुनं समभवदशनाया मृत्यु: ॥''.

विश्वांतु दर एक वस्तु सृजन जाता ते सर्व काम शक्तीक लागूनचि निर्माण जाता. पार्वतीपासून स्कंद देवालो जन्म जावचे खातिर शंकराले मनांतु कामोत्पत्ती कामादेवाक जागृत करचि पडलि. हो मूळ सिद्धांत समज नासताना कामशक्तीचो प्रतिकार करचो, कामशक्तीचो दुरुपयोग करचो हें अज्ञान जावनुं आसा. देकून ''धर्माविरुद्धो भूतेषु कामोऽस्मि '' म्हण्णुं आपण्यालि ओळख कृष्णान पयलेंचि करनुं दिलिलि आसा. भारतीय संस्कृतींतु कामशक्ती सकारात्मक तरेन परिवर्तन केल्यार अध्यात्मिक प्रगतींतु एक प्रधान माध्यम जावूं शकता म्हण्णुं सांगचांतु आयल्यां. स्रिश्टींतु अकारण असलें कांयी आसना. सर्व उर्जा परमात्मालीचि आशिल्यान जें आसता, जें घडता तें सर्व परमात्मान दिलिले उर्जा शक्तीक लागूनचि आसता, घडता. जेन्नां ती उर्जा ज्ञान–विज्ञानाक लागून शास्त्र संमत यम नियमांक लागून वापरचांतु येता तेन्नां ती उर्जा सकारात्मक आसून ऊर्ध्वगतीचे दिशेन परिवर्तन जायत आसता. जेन्नां ती उर्जा इंद्रियांक प्राधान्य दिलिल्यान ज्ञान–विज्ञानाचे विपरीत आनि शास्त्रांतु घालनु दिलिले यम नियमां विरुद्ध वापरचांतु येता तेन्नां ती उर्जा नकारात्मक म्हणचातु येवनुं तें स्रिश्टीक अधोगतीचे दीशेन व्हरता. अज्ञानि मनुष्य कामवासना इंद्रियांचे समाधाना खातिर वापरता, देकून संसारांतले बंधनांतु अडखळत आसता. ज्ञानि मनुष्य कामावासना प्रजोत्पत्ति आनि अध्यात्मिक समाधाना खातिर वापरता, देकून परमात्माले अलौकिक प्रकाशांतु संसारांतले बंधनांतल्यान मुक्त जाता. ययाति रायान अज्ञानाक लागून कामाचो प्रभाव इंद्रिय सुखा खातिर वापरिल्यान संसारांतु दु:ख अनुभवलें. राधेन ज्ञान–विज्ञानक लागून कामाचो प्रभाव अध्यात्मिक परामानंदा खातिर वापरिल्यान ती जीवनांतु कृष्ण–प्रेम अनुभवनुं जीवनमुक्त जालि. कामावासनेक लागून दितीन कश्यप मुनीलागीं अयोग्य समयारि संभोगाचि याचना करनुं हिरण्याक्ष आनि हिरण्यकशिपु असुरांक जन्म दिलो; हिरण्यकशिपु महेंद्र पर्वता वयर तप करत आसताना तागेलि पत्नीन नारादाले आश्रमाचे अध्यात्मिक वातावरणांतु वास्तव्य केलिल्यान तीणें वैष्णव भक्त प्रह्लादाक जन्म दिलो. कृष्ण म्हणता किं सकारात्माक कामवासनेक लागून स्रिश्टी निर्माण जालि तर नकारात्मक कामवासनेक लागून स्रिश्टी विसर्जन जालि. जेन्नां जगांतले सर्व सामान्य तरेन अध्यात्मिक विकासा खातिर काम शक्तीचो प्रतिकार करचांतु येता.

परमात्मा सर्पांतु वासुकी, नागांतु शेषनाग, जलचरांतु वरुण, पितरांतु आर्यमा आसता. दर एक कार्याक एक एक शक्ति निर्धारित आसता. जन्म–मरणाचो अंतिम शासक यमधर्मराय आसा. जेन्नां एक स्थूल शरीर जीर्ण जालिल्यान तें आत्माचे प्रवासांतु सक्षम आसना तेन्नां ते अत्माक जीर्ण शरीर त्याग करनुं नवें शरीर प्राप्त जावचाक यमधर्मराय एक शासक आनि मृत्यूले रूपान एक माध्यम जावनुं अवकाश दिता. स्थूल शरीर जीर्ण जाल्यार संसारांतु ते शरीराक लागून प्राप्त जालिलें महत्व यमधर्मरायाक निश्पक्ष शासक आशिल्यान अडथळे

निर्माण करनांचि. पृथ्वीवयर जो जन्माक येता तो राजा आसूं किंवा रंक, शक्तिमान किंवा निर्बल, सुखांतु रमण करचो धनाढ्य किंवा दुःखांतु तळमळचो भिखारी काळ, समय निश्चित आशिल्यान मरण आनि मरणाचो क्षण सुद्धां निश्चित आसता. देकून यमधर्मरायाले शासनांतु शिथिलता आसचि संभव ना, कारण तो कोणांलोयी पक्षपात, भेदभाव करनासताना तटस्थ आसता.

''प्रह्लादास्मि दैत्यानां'' – परमात्माले भक्ताचि ओळख जन्म घेतिलें कुळ, जात, समाज, ज्ञान आनि अज्ञाना वयर अवलंबून ना तर तागेले गुण स्वभावा वयर आसता. ब्राह्मणाले घरांतु जन्म घेतिले परशुराम आनि क्षत्रिय कुळांतु जन्म घेतिले विश्वामित्रांतु, राजाले घरांतु जन्म घेतिले धृव आनि रंकाले घरांतु जन्म घेतिले सुदामांतु अंतर ना. प्रह्लादान दैत्य कुळांतु जन्म घेतलो, रावणान ब्राह्मण–ऋशींले कुळांतु जन्म घेतलो. जन घेतिलि परिस्थिति कितलि प्रतिकूल आसल्यारियी गुण स्वभाव जर सात्विक आसल्यार तो जन्म असुर प्रवृत्तीक शरण वच्चो ना. प्रह्लाद जन्म प्रतिकूल अवस्थेंतु जाल्यारियी गुण स्वभाव सात्विक आशिल्यान तो परमात्मालो परम भक्त जालो आनि जीवन सुकृत, सुगम जालें. रावणालो जन्म अनुकूल अवस्थेंतु जाल्यारियी गुण स्वभाव असुर वृत्तीचे आशिल्यान तो तो परमात्मालो द्वेश करतालो.

मनुष्यालो प्रकृतिजन्य गुण स्वभाव जर बदालचें शक्य आशिल्लें तर सात्वाइक गुण स्वभावचे ऋशींले वचनाक लागून सरव् विश्व सातिविक वृत्तीचे जावनूम् परमात्माक शरण आसतालें. देकून अज्ञानाक लागून मनुष्यान कर्मचें श्रेय स्वतःचे बुद्धि आनि कर्तुत्वाक दिवचांतु येत आसल्यारियी वास्तवांअतु कर्म गुण स्वभावाक लागून करचांतु येता. मनुष्याले वागणूकीवयर गुण स्वभावाचो जावचो प्रभाव दुर्योधन जाणतालो देकून तो म्हणता ''जानामि धर्म्यं न च मे प्रवृत्तिः जानाम्यधर्मं न च मे निवृत्तिः । केनापि देवेन हृदि स्थिथेन यथा नियुक्तो तथा करोमि ॥''. ताजे विपरीत असुर कुळांतु जन्माक आयिलो प्रह्लाद म्हणता – ''मां मां प्रलोभयोत्पत्त्ययाऽऽसक्तं कामेषु तैवरिः । तत्संगभितो निर्विण्णो मुमुक्षुस्त्वामुपाश्रितः ॥ ... यदी रासीश मे कामान् वरांस्त्वं वरदर्षभ । कामानां हृद्यसंसेहं भवतस्तु वृणे वरम् ''.

जो सामान्य मनुष्यांक भूत, वर्तमान आनि भविष्य काळ म्हण्णुं ज्ञात आसता तो लौकिक संसारांतु इंद्रियांचे प्रभावाक लागून क्षणांतले वेग–वेगळे आनि अनेक अनुभवांक जोडिल्यान निर्माण जालिलें गणीत आसा. कृष्ण आपूण ''कालः कलयतामहम्'' म्हण्णुं जे काळा विशय कृष्ण उलयता तो भूत, वर्तमान आनि भविष्य अवस्थेंचे पेलतडेन आशिल्लो पूर्णस्वरूप काळ आसा. किंबहुना परमात्मा भूत, वर्तमान आनि भविष्य काळ जावनुं आशिल्यान – ''पुरुष ऐवेदं सर्वं यद् भुतम् यच्च भव्यम् । उतामृतत्वस्येशानो यद् अन्नेनतिरहति ॥'' ताका भूत, वर्तमान किंवा भविष्य काळाचे बंधन ना.

भौतिक पातळीवयर भूत काळांतले क्षण अदृश्य जाताचि, वर्तमान काळांतले क्षण प्रभावित करनुं भविष्य काळाचि रूप रेषा निर्धारित जाता. क्षणांचे मोजमाप केलिल्यान काळाचो प्रभाव आनि क्षमता ध्यानांतु येता. हे प्रक्रियेक संसार म्हणताचि. भौतिक मन काळाचे आधीन आसता. मनुष्याले संसारांतु एक क्षण जास्त मेळना, एक क्षण कमिं मेळना. जो क्षण भूतकाळांतु समावेश जाला तो परत मेळचो ना, भविष्यकाळांतलो क्षण जो अपेक्षित आसता तो मेळचो निश्चित ना.

ध्यानांतु दवरका किं भौतिक संसारंतु भूत, वर्तमान आनि भविष्य काळ आसता, अध्यात्माचे अनुभवांतु न्हंय. परमात्मालो साक्षात्कार जावचो आसल्यार मनुष्याक पयलें भूत काळांतु परमात्मा विशय आशिल्ले सर्व विचार, कल्पना, संस्कार आनि तेचि तरेन भविष्य काळांताले सर्व इच्छा, कामना, स्वप्नं तागेले मनांताल्यान विसर्जन करनुं मन शुद्ध, श्रद्धावान्, उघड दवरचाक जाय. परमात्माले साक्षात्कारा खातिर ज्ञानि जन शास्त्रांतले वचन श्रवण, मनन, चिंतन, ध्यान, धारण करत साधना, तप, योग करताचि. हे सर्ब सधने शिवाय अन्य मार्ग नसल्यारियी मनुष्याक जो अध्यात्मिक अनुभव जाता तो तेन्नांचि जाता जेन्नां तो श्वासोच्छवासा वयर नियंत्रण, श्वासाचो वेग स्थिर, मन शांत, अविचल करनुं भूत, वर्तमान आनि भविष्य काळाचे पेलतडेन वचून, काळाचे

बंधनांतल्यान मुक्त जावनुं दोळ्याचे पापण्यो उघड झांक करचे अंतराळांतु वीज झळकले तरेन चमकून – ''यदेतद्विद्युतो व्यद्युतदाऽ इतीन्न्यमीमिपदा ॥'' भूत काळाचे विचारान किंवा भविष्य काळाचे स्वप्नान प्रभावित जाय नासताना परमात्मालें अलौकिक रूपमैश्वर्य अनुभवचो आसता.

पुण तप करनुं परमात्मालें अलौकिक रूपमैश्वर्य अनुभवलें तरियी संसारांतले बंधनांतल्यान जीव्नमुक्त जाल्यारियी ताका, तो ज्ञानी आसू, संत आसूं, परमहंस आसूं, पूर्व जन्मापासून प्राप्त जालिलें प्रारब्ध कर्म सोंपवनुं, कृतकृत्यवान् जावनुं जे तरेन सर्प आपण्याले जीर्ण जालिलें शरीर त्याग करता ते तरेन शरीर त्याग करनुं – ''यद्यथाहिनिल्वरयनी वल्मिके मृता प्रत्यस्ता शयीत'' देहांतल्यान मुक्त जाय पर्यंत उरिलो जीवन जगचें आसता. आनि ताजे नंतर जे तरेन आकाशांतालो वारो अवकाशंतले वायूंतु प्रवेश करता ते तरेन जीवात्मा परमात्मांतु विलीन जाता – ''जीवनमुक्तस् स विज्ञेय स धन्य कृतकृत्वान् जीवनमुक्तपदं त्यक्त्वा स्वदेहे कालसात्कृते विशत्य देहमुक्त्वं पवनोऽस्पंदतामिव ॥''.

परमात्मा पवित्र वायु असा – ''पवनः पावतामस्मि''. वायूलें पयले लक्षण म्हळ्यार स्वातंत्र्य, पावित्र्य, गतिशीलता, प्रगतिशीलता, सृजनशीलता आसता. वायु स्थूल नाशिल्यान दोळयान पोळोवचाक येना, आफ्रुडचाक येना, आयकुवचाक, हुंगचाक येना, सूक्ष्म आशिल्यान केवल स्पर्श केलिल्यान अनुभवचांतु येता. वायु अनिकेत आसता, अतिथि तरेन केन्नांयि येता, केन्नांयि वता, सन्यासी तरेन सतत भ्रमण करत एक निश्चित स्थाना वयर स्थिर किंव वास्तव्य करना. वायूक बांदचें, परतंत्र करचें कठीण आसता. कारण जें स्थिर असता तें बंधिस्थ आसत. जें बंधिस्त आसता तें दूशित, दुर्गंधित, अपवित्र जाता. मनाचे द्वार उघड दवरल्यार वायु भितर भायर स्वच्छंद भ्रमण करनुं मन शुद्ध आनि आंतःकरण पवित्र, पारदर्शक करता. देकून वायु परमात्मालें एक महत्वाचें माध्यम आसून सर्व इंद्रियां पेक्षा सूक्ष्म आसून शरीर–आकारांतु प्रवेश केलिल्यान इंद्रियांक सतेज आनि शरीरांतल्यान विसर्जन जालो किं इंद्रियं निस्तेज करता. देकून मनुष्याले जीवनांतुअ प्राण वायूचें महत्व जास्त आसता.प्राणवायूचे उपस्थितीक जीवन आनि प्राणवायूचे अनुपस्थितीक मरण म्हणचांतु येता. प्राणवायु शिवाय स्रिश्टि एक क्षणबि आसू शकना. ओंकाराचे रूपान सूक्ष्मांतु सूक्ष्म अनाहत आसून स्रिश्टींतु प्राणाचे रूपान पसरनुं प्रत्येक वस्तु–पदार्थांक सृजन करनुं प्रवासाचि सुरवात करता, प्रत्येक वस्तु–पदार्थांतल्यान विसर्जन जावनुं प्रवास सोंपयता. प्राणवायूले महत्व जाणून छांदोग्य उपनिषद प्राण वायूक ज्येष्ठ, श्रेष्ठ म्हणता – ''ओं यो ह वै ज्येष्ठं च श्रेष्ठ च वेद ज्येष्ठश्च ह वै श्रेष्ठश्च भवति प्राणो वाव ज्येष्ठश्चश्रेष्ठश्च ॥''.

परमात्मा शस्त्रधारींतु राम आसा – ''रामः शस्त्रभृतामहम्''. राम म्हळयार तो जो दैवी शक्तीक लागून मुनिजन अज्ञान दूर जालिल्यान संतोष अनुभवताचि – ''यस्मिन् रमंते मुनयो विद्यया ज्ञानविप्लवे । तं गुरुः प्राह रामेति रमणास्राम इत्यपि ॥''. जो शास्त्राचे शस्त्र सकारात्मक भावनेन अज्ञान दूर करचाक उपयोजनेंतु हाडता तागेले मन आनि अंतःकरणांतु दैवी शक्ति अवतरता आनि जो शास्त्राचे शस्त्र नकारात्मक भावनेन उपयोजनेंतु हाडता तागेले मन आनि अंतःकरणांतु असुर शक्ति संचार करता. परमात्मान स्रिश्टींतले घटकांक सृजन करनुं धर्मस्थापन करताना उद्देश अधार्मिक असुरांलो नाश करचो न्हंय तर गुण स्वभावाक लागून अधार्मिक कर्म करचे असुरांले शरीर नाश करचें न्हंय तर शरीर नाश जालिल्यान तांगेले अज्ञान आनि असुर प्रवृत्ति नाश करनुं थंय ज्ञान आनि धर्म परत स्थापित करचें आसता.

पूर्वकाळांतल्यान धर्मशास्त्राचो हो प्रधान आनि प्राथमिक उद्देश जवनुं आसता किं जेन्नां जेन्नां समाजांतले मनुष्यांले मनांतु अज्ञान, अधार्मिक, दुश्ट आनि असुरी प्रवृत्ति प्रभावित जाता तेन्नां तेन्नां स्रिश्टींतले वेग–वेगळे प्राकृतिक स्थूल किंवा सूक्ष्म शक्तींक, चेतन अचेतन जीव, जंतु, जनांवरांले अनि अखेरिक जनांले स्ठूल आकारांतलि सत्व–रज–तम तिगुणामयी सक्ति सृजन आनि प्रभावित करनुं धर्माचें संरक्षण जावचाक धर्म प्रस्थापित करचे देवताकार्याचें असामान्य सफ़लतेचें श्रेय दशावतारचे रूपान किंवा कृष्णान विभूतींचो विस्तारांचे निरूपण केलिले तरेन प्रतिभावान् चेतन–अचेतन माध्यमांक दिवचांतु आयलें.

परमात्मा ''स्रोतसामस्मि जान्हवी''. जन्हु ऋशि आनि भगिरथ राजालो माध्यम रूपान भूतला वयर प्रवाहित जालिल्यान जान्हवी आनि भागिरथि म्हण्णुं संबोधन करचांतु येवचि नदी म्हळयार गंगा नदी. जगांतु गंगानदी पेक्षा आकारान व्होड आनि विस्तारान जास्त प्रशस्त नदी अनेक आसाचि. पुण गंगा नदींतु जें आसा तें दुसरे खंयचेयी नदींतु ना. गंगा एक नदी न्हंय, एक विचार, कल्पना, एक द्रिश्टीकोण, एक भावना, एक संस्कार जाका लागून भारताचो आत्मा सुधृढ जालिलो आसा.

भारताचे धर्म, ऋशी परंपरा, साहित्य, संस्कृति आनि संप्रदाय सर्वांनि गंगेचो स्रोता पासून सृजन जाले इतलेंचि न्हंय तर गंगा नदी अनंत काळा पर्यंत शुद्ध, पवित्र दवरचो खातिर साक्षात शिव महादेवान काशीक्षेत्रांतु येवनुं आपण्यालो निवास स्थान केलें. काशीक्षेत्र हें शिवालो वास्तव्यान पूज्य जालिल्यान तें क्षेत्र अनादिकाळा पासून मोक्षस्थान जावनुं भारतांतलो एक श्रेष्ठ श्रद्धा स्थान आनि पुण्य प्रदान करचें एक साधन जावनुं आसा.
जशें जशें गंगा नदी भौतिक पातळी वयर दुशित जायत आसता तशें तशें ती स्वयं साक्ष उर्जेक लागून परत परत सृजन जायत आसता. जे तरेन ऋशि मुनींले मन आनि अंत:अकरण इंद्रियांचे नकारात्मक प्रभावाक लागून दूशित जायना ते तरेन गंगोत्री पासुन सुरवात जावनुं मार्गा वयर मनुष्यले अवगुण, पाप, मल, मूत्र, रस–रसायन, प्रेतराशी मिसळलो तरि पवित्र पुण्यश्लोक गंगा दूशित जायना. कारण गंगा नदि भौतिक संसारांतु दिसचो उदकाचो प्रवाह न्हंय तर अध्यात्मिक पातळीवयर नित्य नूतन प्रवाहित जावचि पवित्र सरिता जावनुं आसा. देकून गंगा नदींतु मनुष्यांनि केलिलें पाप तक्षण नाश जावनुं तांका मोक्ष प्राप्त जाता म्हण्णुं शतमानान शतमान भारतीय धर्म परंपरा आनि संस्कृतीक लागून स्वीकारचांतु आयिलें आसा.

तीर्थ स्थान जन मानसांले अध्यात्मिक जीवन जोडता. गंगा तटावयर तटस्थ, शांत बसून ध्यान करचे यतींक पवित्र, पुण्यश्लोक गंगा नदी आधार स्तंभ जावनुं शरीराचो, जीवनाचो अंतिम क्षणाचो अनुभव दीवनुं अंतिम लक्ष्य, मोक्ष प्राप्त करनुं दिता. भारतीय मनुष्य जर भारताचें तीर्थस्थान विसरलो तर ताणें स्वत:चे आवयक, स्वत:चे आत्माक विसरले तशें आसता. गंगा नदीचें महत्व समजचें आसल्यार मनुष्याक भारतांतु जन्म घेवचें पडता. कृष्ण म्हणता ''सर्गाणामादिरंतश्च मध्यं च''. परमात्मा 'तद् एकम्' जावनुं आशिल्यान, ताजे व्यतिरिक्त विंगड कोणिंयी, कांयिंयी अभिव्यक्त नाशिल्यान तोचि सर्वांचो सुरवात, मध्य आनि अंत जावनुं आसा. तोचि निर्माण, संरक्षण आनि विसर्जन करता. तोचि ब्रह्म, विष्णु आनि महेश्वर आसा.

कृष्ण ''अध्यात्मविद्या विद्यानां''. मोक्ष हें पुरुषार्थाचें अंतिम लक्ष्य आसून वेदविद्येंतलें गूढ, रहस्य, ज्ञान–विज्ञान जाणचें ध्येय आसून अध्यात्मविद्या तें प्राप्त करचाक एक श्रेष्ठ साधन जावनुं आसा. अध्यात्मविद्या म्हळयार चार वेदाचे चार ग्रंथांतु आशिल्लें सीमित ज्ञान न्हंय तर वेद ऋचांतु अदृश्य रूपान आशिल्लें परमात्मालें अविनाशी, व्यापक, गूढ रहस्य, ज्ञान–विज्ञान, जे विशय शिवस्वरोदय नांवाचो ग्रंथ् ''न वेदं वेद इति आहुर् वेदे वेदो न विद्यते । परमात्मा वेद्यते येन स वेदो वेद उच्यते ॥'' म्हण्णुं स्पश्टीकरण दिता. वेदविद्या तीचि आसता जे मुखांतर आत्माज्ञान प्राप्त जाता शिवाय वेदग्रंथांक वेद म्हणचें अनुचित आसतालें. मुंडक उपनिशद विद्येचे दोन प्रकार सांगता – शास्त्रांतल्यान प्राप्त जावचें भौतिक परा ज्ञान आनि अनुभवांतल्यान परमात्मलो साक्षात्कार करनुं दिवचें अपरा विज्ञान आसा. जीवनाचे विकास आनि अभिवृद्धि सर्वतोमुखी, सर्वांगी, पूर्ण आनि पूरक जावचि आसल्यार भौतिक पातळीवयले परा ज्ञान आनि अध्यात्मिक पातळी वयलें अपरा विज्ञानांतु संतुलन आसचाक जाय. मुंडक उपनिशद सांगता किं जेन्नां चित्त सर्व तरेन शांत आनि संयमित दवरनुं सेवभावान साधक येता तेन्नां ज्ञान–विज्ञानान परिपूर्ण आशिल्लो गुरु ताका ते अक्षर परम पुरुषालें ज्ञान–विज्ञान दिता – ''तस्मै स विद्वानुपसन्नाय सम्यक्प्रशांतचित्ताय शमन्विताय । येनाक्षरं पुरुषं वेद सत्यं प्रोवाच तां तत्वतो ब्रह्मविद्याम् ॥''. छांदोग्य उपनिशदांतु गुरु कडचान विद्या व्यासंग घेवनुं परत आयिल्लो श्वेतकेतूक तागेले बापय आरुणीन विचारले किं तागेले गुरून जें प्राप्त जालिल्यान आयकुवचाक येनाशिल्लें आयकुवचाक येता, मनन केलिलें नाशिल्लें मनन करचांतु येता, जाणचाक येनाशिल्लें जाणचांतु येता म्हण्णुं तें अध्यात्म विज्ञान –

''येनाश्रुतं श्रुतं भवति भवत्यमतं मतमविज्ञातं विज्ञातमिति: ॥'' दिल्यां किं ना म्हण्णुं विचारिलें आसा.  कारण जें भौतिक ज्ञान इंद्रिय मुखांतर मेळता तें क्षणिक आनि नाशिवंत आसता; इंद्रियांचे पेलतडेनचें संवेदनेक लागून मेळचें अध्यात्म विज्ञान सनातन, अविनाशि आसता.

पाश्चिमात्य संस्कृतीचे प्रभावाक लागून इंद्रिय मुखांतर मेळचें अपरा ज्ञानाक महत्व जास्त दिवचंतु आयिल्यान इंद्रियांचे पेलतडेनचान प्राप्त जावचे अध्यात्मिक परा विज्ञान उपेक्षा जालिलें आसा. पूर्व काळांतु अध्यात्मिक विज्ञानाक जास्त महत्व दिवचांतु येतालें कारण तें प्राप्त केलिल्यान जें आयकुवचें आसता तें आयकुवचांतु येता, जें जाणचें आसता तें जाणचांतु येता.  भारताचि वर्तमान परिस्थिति असंतुलित जावचाक मुख्य कारण म्हळयार अध्यात्मिक विज्ञानाचि विस्मरण आसा, जे विशय द्वापर युगाचे अंत समयाक कृष्णान भलरामाक स्मृति भ्रंशाचे बींय कलिकालाचे लांब पडिले सावळीक लागून सांगिल्लि. अर्जुनाक आपण्यालो गुण स्वभाव आनि स्वधर्माचो जो विसर पडिलो तो हेचि कारणाक लागून आशिल्लो. देकून कृष्णान अर्जुनाक माध्यम करनुं ''ज्ञानं तेऽहम् सविज्ञानमिदं वक्षाम्यशेषत: । यज्ज्ञात्वा नेह भुयोऽन्यज्ज्ञातव्यमवशिष्यते ॥'' दिलिलें अध्यात्म ज्ञान–विज्ञान परत श्रवण, मनन, चिंतन, ध्यान करचें अपेक्षित इतलेंचि न्हंय तर आवश्यक आसा.

पयलें अध्यात्मिक पातळीवायर ''काल: कलयतामहम्'' म्हण्णुं त्रिकाळाचे पेलतडेन आशिल्लें पूर्णस्वरूपा विशय उलोवनुं आतां कृष्ण भौतिक पातळीवयर परमात्मा – ''अहमेवाक्षय: काल:'' म्हणता. बिंब रूपान आशिल्ले अव्याकृत काळाक सुरवात ना किंवा अंत ना, जन्म ना किंवा मरण ना. काळ जीवनबि असा, मरणबी आसा. जर कोणिं समजता किं जीवन आश्वासन आनि मरण शासन दिता, तर तो सत्य स्थिति जाणना. काळ शाश्वत, सनातन, अक्षय, अव्यय आशिल्यान वाढना किंवा क्षीण जायना, बदलना, रूपांतर किंवा परिवर्तन जायना. जो मनुष्य सत्य जाणता तो जन्म आनि मरण हे काळाक लागून प्रकृतींतु निश्चित घडचे घटना आसताचि म्हण्णुं मान्य करता तो काळाचे बरोबर सख्य दवरता. काळाचे बरोबर सख्य दवरचें म्हळयार काळाक लागून घडचे घटना पोळोवनुं चिंतित आसचो ना, मान्य करनुं स्वीकारचें आसता. जें घडता ताजे बरोबर अत्मभाव दवरचो, वैरभाव न्हंय, अनुरोध दवरचो, अवरोध न्हंय, संतुलन दवरचें असंतुलन न्हंय.

पुण भूत, वर्तमान, भविष्याचे रूपान जें स्रिश्टींतु नाम–रूपान व्याकृत प्रतिबिंब जालिलें आसा ते काळाक सुरवात आसा, अंत आसा, जन्म आसा, मरण आसा. काळ अशाश्वत आसून वाढता, क्षणान क्षण क्षीण जाता, नवे आकार, नवे रूप, नवे वळण घेत अनेक रूपांतु दिवस, म्हैने, वर्स रूपान विस्तारित जायत, बदलता, रूपांतर आनि परिवर्तन जायत आसता. हो बदलचो समय अक्षय काळाचे तुलनेन क्षुद्र आसता. काळ नासल्यार कांयि परिणाम आसचे नांचि, रूपांतरित जावचें ना, परिवर्तन जावचें ना, घटचें ना, घडचें ना. काळाक कोणिंयी मित्र ना, कोणिंयी शत्रु ना. गति ही काळाचो गुण स्वभाव आनि प्रगति हें लक्ष्य आसता. सर्व काळाक लागून काळांतूचि घटता, घडता – ''कालो अश्वो वहति सप्तरश्मि: .... तां आरोहंति कवयो विपश्चित:'', ''तस्य चक्रा भुवनानि विश्वा'' म्हण्णुं शास्तोक्ति आसा. शरीराक मरण आसता, काळाक न्हंय. सर्व जनांले जन्माचो आनि सर्व जनांले मरणाचो मूळ कारण काळ आसता. महाभारतांतु विदुर धृतराष्ट्राक सांगता – 'काल: कर्षति भुतानि सर्वाणि विविधान्युत: । न कालस्य प्रिय: कश्चिन्न द्वेश्य: कुरुसत्तम: ॥ ... न मध्यस्थ: क्वचित्काल: सर्वं कालप्रकर्षति ॥ काल: पचति भूतनि काल: संहरते प्रजा: । काल: सुप्तेषु जागर्ति कालो हि दुरतिक्रम: ॥''.

ऋग्वेद सांगता किं जेन्नां अंत समय, क्षण येता तेन्नां प्रतिबिंब रूपान निर्माण जालिलि स्रि्श्टी आनि नाम–रूपान व्याकृत जालिले पृथ्वी, आकाश, सूर्य आनि सौर मंडल, सागर, चेत–अचेतन प्रकृति, जीव–जंतु, जन–जनांवर, पशु–पक्षि सर्व विसर्जन जाताचि. जेन्नां परत स्रिश्टि व्याकृत जावचो समय, क्षण येता तेन्नां प्रतिबिंब रूपान निर्माण जालिलि स्रि्श्टी आनि नाम–रूपान व्याकृत जालिले पृथ्वी, आकाश, सूर्य आनि सौर मंडल, सागर, चेत–अचेतन प्रकृति, जीव–जंतु, जन–जनांवर, पशु–पक्षि सर्व परत निर्माण करचांतु येताचि.

जे मनुष्यान अक्षय काळाचो अनुभव घेतिलो आसा ते मनुष्याक क्षण, दिवस, म्हैने, वर्सांचे बदलचे, रूपांतर, परिवर्तन जावचे भौतिक काळ प्रभावित करचो ना, भूत काळांतले विचार, आचार, संस्कार किंवा भविष्य काळांतले इच्छा, कल्पना, स्वप्न बंधनकारक आसचे नांचि. सर्व अडथळे, श्रृंखला तुटून पडिल्यान तो वर्तमान क्षणांतु, क्षणाचो म्हळयार परमात्मालो साक्षात्कार अनुभव मुक्त हस्तान घेतालो.

संसारांतु सर्व साधरण मनुष्य परमात्माक प्राप्त जावचे खातिर अनेक मार्ग, अनेक साधनं, माध्यमं उपलब्ध आसाचि म्हण्णुं सर्व मार्ग, साधनं, माध्यम वापरत, परमात्माले अनेक रूप, आकार आसाचि म्हण्णुं सर्व रूप, आकारांचि पूजा करता, परमात्मालें दर्शन प्रप्त करचाक अनेक मंदिर आसाचि म्हण्णुं सर्व मंदिशचि भेट घेत आसता. पुण परमात्मालें दर्शन जावचें आसल्यार मार्ग अनेक आसल्यारियी दिशा निश्चित नासल्यार सर्व मार्गावयर भटकचें न्हंय, परमात्माले रूप, आकार आसल्यारियी अंतःकरणांतु श्रद्धा नासल्यार सर्व रूप, आकारांचि पूजा–पाठ, जप, तप, ध्यान, धारणा करचि न्हंय, सर्व मंदिर, तीर्थ किंवा क्षेत्र स्थळ भेटचें आवष्यक ना. ध्यानांतु दवरका किं भक्त जरी परमात्माक भायर शोधता, वेग–वेगळे रूप–आकारांतु शोधता, परमात्माक प्राप्त करचाक पूजा–पाठ, जप, तप, ध्यान, धारणा करता, तीर्थ यात्रा क्षेत्र दर्शन करता तरियी मंदिर शोधचाक मनाचो सर्व द्वार श्रद्धेन उघड दवरल्यार ताका भायर चार दिशेन भटकचें आवश्यक ना. कारण मंदिर तागेले भितर अंतःकरणांतु आशिल्यान परमात्मालो 'आदित्यवर्णं तमसः परस्तात्' 'ज्योतिषां ज्योतिरुत्तमं' साक्षात्कार जातालो.

पुण जे मनुष्यांक शास्त्रां वयर विश्वास दवरनुं पठण केल्यारियी, गुरूले वयर विश्वास दवरनुं प्रवचनं आयकल्यारियी, मनाक पटचे संकेत, उदाहरण दिल्यारियी, अनेक मार्ग दाखयल्यारियी, जर तांगेलो परमात्माले वयर मूळांतूचि विश्वास ना तर तागेले मनांतलो विश्वास श्रद्धेंतु रूपांतर जावनुं तागेले अंतःकरणाचे द्वार कशें पूर्ण ऊघड आसताले? अंतःकरणाचे द्वार ऊघडले ना तर परमत्मालें दर्शन कशें जातालें?श्री समर्थ रामदास म्हणताचि ''ब्रह्मा विष्णु आणि हर । त्यांसि निर्माता तोचि थोर । तो वोळखावा परमेश्वर । नाना यत्नें करोनिया ॥ … येक म्हणतिई विष्णु थोर । येक म्हणति रुद्र थोर । येक म्हणति शक्ति थोर । सकळां मध्यें ॥ ऐसे आपुलालेपरि बोलती । परंतु अवधेंचि नासेल कल्पांती । यद् दृश्टं तन्नश्टं हे श्रुती । बोलतसे ॥''. देकून मनुष्यान ''निर्गुण आत्मा तो निर्मळ । जैसे आकाश अंतराळ । घनदाट निर्मळ निश्चळ स्दोदित ॥ … अविनाश तें ब्रह्म निर्गुण । नासे ते माया सगुण । सगुण आणि निर्गुण कालवलें ॥'' सगुण निर्गुणाचे पैलतडेन आशिल्ले परमात्माक लक्ष्य करनुं पूजचाक जाय. अन्यथा परब्रह्म परमात्मा अज्ञातचि आसतालो.

''धाताऽहं विश्वतोमुखः ॥''. काळाचे बंधनांतल्यन मुक्त जालिल्यान परमात्मालो साक्षात्कार नवे द्वार उघडनुं, नवे प्रतीक, नवे संकेत, साधनं, माध्यमं वापरनुं नवे द्रिश्टीन पळयत आपण्याले गुण स्वभावाक अनुरूप मनुष्य परमात्माले विश्व व्यापकत्व अनुभवतालो. सत्य एकचि आसल्यारियी, परमात्म एकचि आसल्यारियी मंदिर, प्रतिमा, मंदिर प्रवेश करचाक द्वार, प्रतिमेचे आकार अनेक आसताचि. खंयचे द्वारान मनुष्य मंदिर प्रवेश करचें, खंयचे आकाराचे खंयचे प्रतिमेचें दर्शन घेवचें हे पूर्ण तरेन तागेले गुण स्वभावा वयर निर्भर आसता. जे तरेन मार्ग मेळिलो आसल्यारियी दिशा निश्चित नाशिल्यान मनुष्य सर्व मार्गावयर भटकत असता ते तरेन एक देवान तो समाधान पावत नासल्यार तो दुसरे देवा कडेन वचून, एक गुरूले वयले विश्वासान एक शास्त्र समजलें नासल्यार दुसरे गुरूके लागीं वचून दुसरे शास्त्राचो आधार घेवचाक तो धडपडचो शिष्य अंतःकरणांतु श्रद्धा नाशिल्यान निर्जन वाळवंटाचे प्रदेशांतु उदाक शोधले तरेन भटकत आसतालो. जर मनुष्यान हे तरेन भटकत नासताना अनुभवी आनि सक्षम गुरून दाखयिलो मार्ग, निदर्शन केलिलि दिशा श्रद्धेन स्वीकारल्यार ताका द्वार योग्य दिशेन उघडिले दिसून योग्य मार्ग प्राप्त जातालो. गुरून दाखयिले द्वार उघडचाक जाय. निदर्शन क्लिले दिशेन चलचाक जाय. द्वार किंवा दिशा महत्वाचें न्हंय द्वार उघडनुं दिशेन पाऊल दवरचें महत्वाचें आसता. द्वार किंवा दिशा महत्वाचें न्हंय तर परमात्मालें दर्शन महत्वाचें आसता. श्रवण, मनन, चिंतन, ध्यान धारणा जर श्रद्धेन केलें

तर पयलें ओंकाराचो अनाहत नाद आयकुवचाक येवनुं अंतःकरणांतु बिंब रूपान आशिल्ले परमात्मालो प्रकाश निश्चयान अभिव्यक्त जातालो. आनि तोचि एकमात्र प्रकाश भायर स्रिश्टींतु इंद्र धनुष्या तरेन नवरंगांतु, अनेकानेक रूपांतु, आकारांतु पसरिलो जानवतालो. देकून कृष्ण ताक अपयले पासून सांगत आसा – ''मन्मना भव मद्भक्तो मद्याजी मां नमस्कुरु । मामेवैष्यसि युक्त्वैवमात्मानं मत्परायणः ॥''.

''मृत्युः सर्वहरश्चाहम् उद्भवश्च भविष्यताम्'' – अव्याकृत परमात्मा शासक आसा तेचि तरेन आश्वासक आसा, तो मृत्यु आसल्यार जन्मदाता आनि धाता सुद्धां आसा. जें व्याकृत जालिलें आसा ते कल्पाचे अंताक तागेले पूर्णावस्थेंतु मिसळनुं घेवचें पयलें जे व्यकृत जालिलें आसा ते नाश जायना तर परत परत बदलत, रूपांतर आनि परिवर्तन जायत आसता. सर्व साधारण मनुष्याक संसारांतु जें प्रेय आसा तेंचि अकर्षित करता, जें स्रिश्टीचे काळचक्राक श्रेय आसता तें ताका विकर्षित करता. शरीरांतलें जीवन आकर्शित आसत, शरीराचें मरण न्हंय. प्रेय कामनेक जन्म दिता, कामना अहंकाराक, अहंकार आसक्टिक, आसक्ति, मोह, लोभ, क्रोधाक जन्म दिता, जे शत्रु जावन् अधोगतीक व्हरताचि. विवेक बुद्धि मित्र आसता, योग्य तरेन वापरल्यार शत्रु मित्र जावू शकताचि. पोरणें शरीर नाश जावनुं नवे शरिरांतु नवे गुण स्वभावाक लागून नवे विचार–आचार प्राप्त जावू शकताचि, नवे मित्र, विकासाक नवें वळण, नवी संधि, अवसर, अवकाश प्राप्त जावू शकता. संसारांताले सर्व संघर्षाचे प्रसंग अनुपयोगी नासताचि. ध्यानांतु दवरका किं जेन्नां देवांनि आनि असुरांनि समुद्र मंथन केलें तेन्नां श्रेय आनि प्रेय, अनेक मित्र आनि शत्रु तरेन भाव अथांग सागरांतल्यान संसाराक उपलब्ध जाले. पुण देवांनि सात्विक गुण स्वभावाक लागूनजे श्रेय अमृतत्व स्वीकारल्यारि, असुरांनि तामसिक गुण स्वभावाक लागून प्रेय, म्रुत्यु स्वीकारलो.

समुद्र मंथनांतल्यान कीर्ति, श्री, वाक्, स्त्री जातीचें स्मृति, मेधा, धृति, क्षमा अवतरले. तांतूतलि अत्यंत सुंदर, अत्यंत मोहक आनि मनोहर श्री आसून ती लक्षणवंत आशिल्यान लक्ष्मी हे नांवान प्रसिद्ध जालि. तिगेलें अप्रतिम, विलोभनीय सौंदर्य पोळोवनुं देव आनि असुरांनि तिका प्राप्त करचाक झगडले. पुण जेन्नां तीणें देव आनि असुरांक निरीक्षण केलें तेन्नां थोडे तपान श्रेष्ठ आसल्यारियी मनान चंचल आशिल्ले, बुद्धीन श्रेष्ठ आसल्यारियी इंद्रियाक शरण, स्वतंत्र आसल्यारियी इंद्रियांक परतंत्र, धार्मिक आसल्यारियी कारुण्याचो आनि भूतदयेचो अभाव, त्याग करचाक उत्सुक आसल्यारियी त्याग करचि प्रवृत्ति, ध्येय ना, रणांगणावयर शूर, वीर आसल्यारियी काळाचे संघर्षांतु निर्बल, दीर्घ अयुष्यवान् आसल्यारियी मैत्रि वा सुविचारांचो दैन्यता आसा म्हण्णुं जाणवलें. ते सर्वांतु केवल श्री विष्णु सर्वगुण संपन्न आनि योग्य दिसलो कार्न तोचि 'ऐश्वर्यस्य समग्रस्य धर्मस्य यशसः श्रीयः । ज्ञानवैराग्ययोश्चैव षण्णं भाग इतीरणा ॥'' परिपूर्ण आशिल्ल्यान तिका स्वीकारचाक योग्य पुरुष आशिल्लो.

देकून परमत्मा ''कीर्तिः श्रीवाक्च नारीणां स्मृतिर्मेशा धृतिः क्षंआः ॥ जावनुं आसा. कीर्ति म्हळ्यार तो गुण जो आशिल्यान स्त्रीक इहलोकांतु सन्मान आनि परलोकांतु गौरव प्राप्त जाता. कीर्ति म्हळयार जे स्त्रीक पळयिल्यान मनांतु वासना न्हंय तर आदर उत्पन्न जाता. स्त्री स्वातंत्र्या खातीर कितले व्याख्यानं उलोवचांतु आयल्यारियी स्त्री भोग्य वस्तु जावनुं पोळोवचांतु येत आशिल्यान कीर्तीचो यथार्थ तीचि स्त्री जाणता जी स्वतःचें शरीरा विषय वासनेचि मूर्ति म्हण्णुं प्रदर्षित करना पुण विद्या, विनय, आदर, सन्मान, पूजा संस्काराचि आदर्श मूर्ति म्हण्णुं शोभता. वाक्, स्मृति, मेधा, धृति, आनि क्षमा हे स्त्रीले शोभेचे गुण म्हण्णुं अध्यात्माचो आशय आसता हे अयजचे स्त्रीक समज नाशिल्यान शरीराचे क्षणिक सौंदर्यान आकर्शित जावनुं शारीरिक सुख दिवचें साधन जावनुं उरल्या.

स्वताः खातीर वा स्वताःचे पुरुषा खातिर शरीर सुशोभित करचि स्त्री दुर्लभ आसून श्री लक्ष्मी तरेन लक्षणवंत आशिल्ले स्त्री क्वचित् दिसचांतु येता. आसूं शकता स्त्री नासमज किंवा हे विशय अचेतन पुण प्रत्यक्षांतु तेंचि दिसता जें दाखोवचांतु येता. तिगेलें बसचें, उठचें, चलचें, तिगेलो पोशाख, शृंगार, आभूषण

पोळोवचे पुरुषांक आकर्षित आनि काम वासना उद्दीप्त करचे तरेन आसता. देकून आयजचे जगांतु आदर्श स्त्री दीसना, जी दिसता ती केवल स्वतःचें सौंदर्य प्रदर्शित करचि वासनेचि मूर्ति, वासनेक आव्हाहन दिवचि वारांगना. स्वतःचे शरीर आकर्शक करचांतु ती जितलो रस घेता तितलो रस ती आपण्याले मानसिक आनि अध्यात्मिक प्रगती खातीर घेना, हें दुर्भाग्य आनि दुर्दव्य आसा. देकून वर्तमान कळीकाळांतले स्त्री वर्गाचे चाल–चलन आनि वर्तणूक आदर्श दाखयना हेंचि सत्य आसा.

किंबहुना परमात्मा सर्वव्यापक जावनुं आशिल्ल्यान स्रिश्टींतु जें आसा तें सर्व – ''त्रिभिर्गुणमयैर्भावैरेभः सर्वमिदं जगत् ।'' उजवाड–सावळि तरेन त्रिगुणान प्रभावित जालिलो आसून सकारात्मक आनि नकारात्मक भाव प्रकट करता – ''शुभाशुभं स्थावरं जंगमं च विष्वक्सेनात् सर्वमेतत् प्रतीहि । यद् वर्तते यच्च भविष्यतीह सर्वं ह्येतत् केशवं त्वं प्रतीहि ॥ मृत्युश्चैव प्राणिनामंतकाले साक्षात् कृष्णः शाश्वतो धर्मवाहः । ... यद् प्रशस्तं च लोकेषु पुण्यं यच्चा शुभाशुभम् । तत्सर्वं केशवोऽचिंत्यो विपरीतमतः परम् ॥''. कृष्णाक द्वापरायुग सोंपचें पयले कळियुगाचि लांब सावळी जिवनांतु धन आनि बलाचे आधारा वयर संसारांतु दिसून येवचो मोह, लोभ आनि दंभाचरण, संभाशणांतलि उद्धटता, आचरणांतु उन्मत्तता, उदरभरणा आनि कुटुंब संरक्षणा खातिर वापरचांतु येवचो पुरुषार्थ, यश मेळोवचे खातिर अधर्माचरण, न्याय दिवचांतु आसचि दुर्बलता दिसून येत आशिल्लि. जेन्नां तो जनांक आपण्याले सकारात्मक, श्रेयस्कर रूपमैश्वर्य विस्तारान सांगता तेन्नां आपण्याले नकारात्मक स्वरूप सुद्धा दाखयता, कारण जे शक्तिस्थान श्रेय स्वीकारचे दिव्य जनांक घाताक आसताचि तेचि प्रेय स्वीकारचे असुरप्रवृतीचे शक्ति निर्मूलन करचाक उपयोजक आसताचि. जेन्नां तो ''द्यूतं छलयतास्मि'' म्हणता तेन्नां समजका किं परमात्मा सूत्रधारान सूत्रं हातांतु घेवनुं त्रिगुणांनि परावृत्त जावचे जीवांक नियंत्रणेंतु दवरचें कार्य जे तरेन मनुष्यांक मोक्ष प्राप्ति खातिर विषयां पासून प्राप्त जावचि आसक्ति विफ़ल करचाक पयलें तांगेले धन–धान्य, संपत्ति–ऐश्वार्य आनि तांगेले पासून मेळचो सुख–समाधा कादनुंघेवचांतु येता, जें वास्तवांतु तांगेले वयर आसिल्लो कृपा द्रिश्टीक लागून परमात्मान केलिलो अन्ग्रह आसता, तें तरेन धर्माचो संरक्षक म्हण्णुं द्यूत खेळनुं संसार विध्वंस करचे जनांलो प्रयत्न द्यूत खेळताना परमात्मा छलरूपान विफ़ल करनुं दिलिलो अनुग्रह म्हण्णुं समजचाक जाय. देकून परमात्मा द्यूत, जुगारांतु सुद्धां तो छल, कपट आसता – ''द्यूतं छलयतास्मि''. जाणते सांगताचि जीवन व्यर्थ सोंपय नासताना स्वतःचें जीवन, घर–दारांतु मन लावनुं आपण्याले संसारांतले कर्तव्य करत इहलोकांतु परमात्मान दिलिलि संपत्तीचो उपभोग घेवनुं जीवन जगका.

कृष्ण म्हणता किं तो ''मौनं चैवास्मि गुह्यानां'' जावनुं आसा. मौन म्हळयार मनांतले शब्द वाणीन उलयत नासताना मनांतूचि शब्द द्वरनुं बसचें न्हंय. किंबहुना समाजांतले एकमेकांक विपरीत गुण स्वाभावऐ जन आशिल्यान मनुष्यालें मन केन्नांयी स्थिर, स्वस्थ आसना, मनांतु निरंतर कोलाहल आसता. जेन्नां मन शब्दांतल्यान उलयना तेन्नां मन मनांतूचि उलयत आसता. मौन मनाचि स्थिति आसता जि तप–स्वाध्यायान, मनन, चिंतन ऐकाग्र, शरीराचे सर्व व्यवहार बंद आनि बुद्धि सुद्धां निश्चल आशिल्यान संभवता. देकून कठ उपनिषद मौन हो एक योग प्रक्रिया म्हणता – ''यदा पंचावतिष्ठंते ज्न्यानि मनसा सह । बुद्धिश्च न विचेष्टति तामाहुः परमं गतिम् ॥ तां योगमिति मन्यंते स्थिरमिंद्रियधारणाम् । अप्रमत्तस्तदा भवति योगो हि प्रभवाप्ययौ ॥''. जेन्नां मनुष्य मौनावस्थेंतु आसता तेनां तो ताणें अध्ययन केलिलें ज्ञान, प्राप्त केलिले सर्व विज्ञान मनांतल्यान पूर्ण विसर्जन करनुं कसलेयि विचार नासताना साक्षी रूपान बाल्यावस्थेंतले शुद्ध, पवित्र, निष्पाप, निश्चिंत स्वस्थ – स्वतःचे आत्मांतु आसता – ''तस्माद् ब्राह्मणः पांडित्यं निर्विद्य बाल्येन तिष्ठसेत् ।''. जेन्नां बालकी ऋशीक सत्याचि परिभाशा करचाक सांगले तेन्नां कसलेयी व्याख्या केल्यारियी ति अपूर्ण किंवा सत्य आसचि ना म्हण्णुं तो उलय नासताना मौनांतु उरलो खंय! हे तरेन मौनावस्थेंतु आशिल्लो मुनीक – ''तमेव धीरो विज्ञाय प्रज्ञां कुर्वीत ब्राह्मणः । नानुध्यायाद् बहुंछब्दान्, वाचो विग्लापनं हि तत् ॥'' म्हण्णुं उल्लेख करताचि. उपनिषद काळांतु चिंतन, मनन, निदिध्यासन, तप सामर्थ्यान अधिकार प्राप्त जालिले ऋशि मुनिंनिंक जेन्नां परमात्मालि व्याख्या करचाक आग्रह

केलो तेन्नां ताणीं स्पश्त शब्दान निरूपण करचाक असमर्थ आशिल्यान – ''नेति नेति, न ह्येतस्मादिति नेत्यन्यपरमस्ति; अथ नामधेयम् ॥'' म्हण्णुं उद्गार काडलो.

मनांतु, अंतःकरणांतु अध्यात्माचें गूढ सत्य जाणचें साध्य आशिल्यान कृष्ण म्हणता – ''मौनं चैवास्मि गुह्यानां''. परमात्मालें अस्तित्व गूढ, गुह्य आसून तें अंतःकरणांतले गुहेंतु आसता. परमात्माले तें स्थान प्राप्त करचो मार्ग शब्दांतल्यान निदर्शन करयेत पुण शब्दांतल्यान प्राप्त जायना. भौतिक पातळीवयलें मन इंद्रियाक लागून प्रभावित जालिले अनेक विचारांचे, संस्कारांचे संकलन आशिल्यान मन स्वतंत्र विचार करू शकना. वेदांतलें ज्ञान भौतिक, लौकिक पातळीवयर इंद्रियांक माध्यम करनुं प्राप्त जावचें आनि हस्तांतर करचें साध्य आसता. वेदांतलें अध्यात्मिक विज्ञान शब्दांतल्यान न्हंय तर केवल भितर अंतरंगांतु इंद्रियातीत माध्यमांतल्यान स्वतः मौनावस्थेचे अशब्दांतल्यान अनुभवचें आसता. जो स्वतःक नियंत्रणेंतु दवरनुं शांत चित्तान समस्वभावान आपण्याले आत्मांतूचि सर्वात्मक परमात्मालें दर्शन घेता – ''तस्मदेवंविच्छंतो दांत उप्रतस्तितिक्षुः समाहितो भूत्वात्मन्येवात्मानं पश्यति, सर्वात्मानं पश्यति ॥''.

परमात्मा आपण्याले पासून वेगळो आनि आपूण परमात्माले पासून वेगळो म्हण्णुं माननुं जो मनुष्य परमात्माले विशय भगवद् गीतेंतले श्लोक श्रवण केलिलें ज्ञान स्मरण आनि कंठस्थ करनुं व्याख्यान दिवचो मनुष्य ज्ञानी आसचाक जाय म्हण्णुं ना. परमात्माक अंतःकरणान शरण गेलिले साधकाक जर अध्यात्माचो अनुभव प्राप्त जाता तर वेद ग्रंथांतलें ज्ञान प्राप्त आसचाक जाय म्हण्णुं ना. परमात्मा एक व्यक्ति न्हंय, तर ज्ञान–विज्ञानाचो एक अलौकिक, एक विशाल, व्यापक अनुभव आसता. देकून कृष्ण म्हणता किं परमात्मालें वर्णन विस्तारान सांगल्यारियी तागेलें रूपमैश्वर्याक आंत ना – ''नांतोऽस्ति नामां दिव्यानां विभूतीनां परंतप । ऐष तूद्देशतः प्रोक्तो विभूतिर्विस्तारो मया ॥''. देकून जें ताणें निरूपण केलिलें आसा तें केवल संक्षेपान अंश मात्र उदाहरण म्हण्णुं सांगिल्लें आसा. पुण जें प्रतीकात्मक आसा, तें प्रतिमेचे रूपान स्वीकारचें न्हंय. प्रतीक साधन आसता, अंतिम लक्ष्य न्हंय. जो परमात्मा निराकार, अनिर्देश्य, अग्राह्य, अगोत्र, अवर्ण, अचक्षु, अश्रोत्र, अपाणि, अपाद, नित्य, सर्वगत, सुसूक्ष्म, अव्यय आसा ताका प्रतीमेचे स्वरूप दीवनुं परमात्माले अव्याकृत अस्तित्व व्यक्त करचें साध्या ना. जें कांय विश्वरूपान व्याकृत जालिलें आसाअ तें सर्व तो अव्याकृत बीजरूपान आशिल्ले तागेले पासून विस्तारित जालिलें आसा – ''यच्चापि सर्वभूतानां बीजं तदहमर्जुन । न तदस्ति विना यत्स्यान्मया भूतं चराचरम् ॥''. देकून कृष्ण म्हणता –''यद्यद्विभूतिमत्सत्वं श्रीमदूर्जितमेव वा । तत्तदेवावगच्छत्वं मम तेजोंशसंभवम् ॥''. किंबहुना जास्त उलोवचें कितें कामाचें, जेन्नां परमात्मा सर्व उत्पत्तीचे कारण जावनुं आसा. सर्व विश्व परमात्माले योग–मायेन व्यापिल्लें आशिल्यानस्रिश्टींतु जें जें ऐश्वर्य, कांति आनि शक्ति दिसता तें सर्व परमात्मालेंचि अंशरूपान प्रतिबिंब आसता. स्रिश्टींतु असलें कांयियी ना जे परमात्मान निर्माण केलिलें ना – ''अथवा बहुनैनेन किं ज्ञानेन तवार्जुन । विश्टभ्याहमिदं कृत्स्नमेकांशेन स्थितो जगत् ॥''.

''अजी पर्जन्यकी धार । गिनेगा क्या धनुर्धर । या पृथ्वीके तृणांकुर । होंगे क्या गिनके ॥ लहरें क्या महा सागारकी । किसीने कभी क्या गिननेकी । मेरी अनंत विभूतियोंकी । कहूं कैसे ॥ .. तभी तू सुनेगा कितनी यहीं । और मैं कहूंगा कितनीं ॥ ... तभी छोटा बडा न मानना । नीच उच्च भावको तजना । भूतमात्रमें मुझे देखना । सम भावसे ॥ ..... नभमें होता रवि–बिंब एक । त्रिभुवनका जो है प्रकाशक । उसके आज्ञारत होते लोक । सकलही सदैव ॥ ऐसोंको अकेला नहीं कहना । साधन हीन न मानना । साथ होते है क्या सभी साधन । काम्धेनूके कभी ॥ उससे जब जो चाहता । तभी प्रसवती माता । वैसे अंगभूत रहता । विश्वभी उसके ॥ ... तब क्यों बुरा भला कहना । स्व–मतीसे विभाग करना । और अपनी मतीसे लगाना । कलंक मुझको ॥ नहीं तो क्या घीका करते मंथन । अमृतको पकाके करें क्या न्यून । वायुका होता क्या दायां बायां पन । कह तू मुझसे ॥'' (ज्ञानेश्वर).

०००००



# *अध्याय इकरावो*
# *विश्वरूप दर्शन योग*

मनुष्यान घरांतु बसून खिडकींतल्यान भायरचो विराट, विशाल आनि व्यापक आकाश पळयलो तर ताका खिडकींतल्यान जितलो आकाश दिसता तितलो तो दिसतालो. जर ताका भायरचो विराट, विशाल आनि व्यापक आकाश पोळोवचो आसल्यार तर ताका घरांतल्यान भायर येवनुं आकाश पोळोवचें पडतालें. अर्जुनालि अवस्था तेचि तरेन आशिल्लि. ताणें कृष्णालें भौतिक पातळीवयलें स्थूल प्राकृतिक मोहक रूप पळयिलें. कृष्ण अनाथांलो नाथ, एक शूर, वीर योद्धा, एक मुत्सद्दि, समाज सृजन करचो प्रभावी व्यक्ति, तीन लोकांतु प्रख्यात महामानव, पुरुषोत्तम म्हण्णुं तो जाणतालो. पुण कृष्णाले प्राकृतिक रूपा मागशी आशिल्लें ज्ञान, ऐश्वर्य, शक्ति, बल, वीर्य, आनि तेजान परिपूर्ण  परम अध्यात्मिक रूपमैश्वर्य अज्ञात आशिल्लें. देकून ताका कृष्णान परमात्माले भूमीकेवयल्यान उलोवचें पूर्ण मान्य जालिलें नाशिल्लें.

आतां अर्जुनालें कुतूहल वाढिल्लें आसा. कृष्णालें प्राकृतिक रूपाचे पेलतडेन आशिल्लें अपरोक्ष रूपमैश्वर्य ताका पोळोवचें आसा. देकून जेन्ना कृष्णाले साकार रूप भौतिक पातळीवयर पोळोवनुं किंवा कृष्णाले अधिभौतिक पातळीवयलें वर्णन आयकून अर्जुनाक समाधान जालो ना तेन्नां तो कृष्णाक अध्यात्मिक रूपमैश्वर्य दाखोवचाक सांगता – ''मदनुग्राहाय परमं गुह्यमध्यात्मसंज्ञितम् । यत्त्वयोक्तं वचस्तेन मोहोऽयं विगतो मम ॥ भवाप्ययौ हि भूतानां श्रुतौ विस्तरशो मया । त्वत्तः कमलपत्राक्ष माहात्म्यापि चाव्ययम् ॥ एवमेतद्यथाऽऽत्थ त्वमात्मानं परमेश्वर । द्रश्टुमिच्छामि ते रूपमैश्वरं पुरुषोत्तम ॥ मन्यसे यदि तच्छक्यं मया द्रश्टुमिति प्रभो । योगेश्वर ततो मे त्वं दर्शयात्मनानमव्ययम् ॥''.

किंबहुना कृष्णान अर्जुनाक दाखयिलें अध्यात्मिक रूपमैश्वर्य भक्तांक प्राप्त जालिलो पयलो साक्षात्कार न्हंय. द्रिश्टि आसल्यार स्रिश्टींतले प्रत्येक अविष्कारांतु परमात्मालो साक्षात्कार जावू शकता. द्रिश्टी वयर मायेचें पांघरूण आसल्यार स्रिश्टींतु परमात्मा असून दिसचो ना किंवा कृष्णाले प्राकृतिक शरीरांतु परमात्मालें परम तत्व जाणवचें ना. परमात्मालें परम तत्व जाणवलें तरियी जेन्नां तें ज्ञान शब्दांतल्यान व्यक्त करताना भूत काळांतल्यान मनावयर जालिले सामाजिक, सांस्कृतिक संस्कार आनि धार्मिक धारणेन प्रभावित जालिले संकेताक लागून जाता. देकून पूर्वकाळा पासून निरूपण जालिले सर्व वर्णनेंतु एक सम समान स्वरूप दिसून येता.

स्रिश्टि विनाश जाले नंतर क्षीरसागरांतु फ़िरत आसताना परमात्मालो साक्षात्कार एक न्यग्रोध झाडाचे फ़ांद्या वयर चेरडले रूपान मार्कंडेय ऋशीक जालिलें महाभारतांतु नमूद आलिलें आसा – ''ततः कदाचित् पश्यामि तस्मिन् सलिलसंचये । न्यग्रोधं सुमहांतं वै विशालं पृथिवीपते । शाखायां तस्य विस्तीर्णायां नराधिप । ..उपविश्टं महाराज पद्मेंदुसदृशाननम् ।''. विवस्वत मनूक मासळेचे रूपान, देव–दानवांक कासवाचे रूपान, हिरण्याक्षाक वराहाचे रूपान, हिरण्यकशिपूक नारसिंहाले रूपान, बलीक वामनाले रूपांतु, धृवाक आनि गजेंद्राक चतुर्भुजान दर्शन जालें. कृष्णालो जन्म जालिले नंतर वसुदेवाक कमळा तरेन शुभ्र दोळ्याचे, चार भुजांचे, चार हातांतु शंख, चक्र, गदा इत्यादि आयुध धारण केलिले, छातीवयर श्रीवत्स, गळ्यांतु कौस्तुभ आनि पीतांबर धारण

केलिले, कुरळे केसावयर वज्र, वैढूर्यान झळकचे किरीट, कानांतु कुंडलान शोभचे रूपान साक्षात् परब्रह्म म्हण्णुं साक्षात्कार जालिलो – ''तमद्भुतं बालकमंबुजेक्षणं चतुर्भुजं शंखगदार्युदायुधम् । श्रीवत्सलक्ष्मं गलशोभिकौत्सुभं पीतांबरं सांद्रपयोदसौभगम् ॥ महार्हवैदूर्यकिरिटीकुण्डलत्विषा परिषुक्तसहस्रकुंतलाम् । उद्दामकांच्यंगदकंकणादिभिर्विरोचमानं वसुदेव ऐक्षत ॥''.

बाल्यावस्थेंतु कृष्णाक दोरीन बांदचो प्रयत्न केलो तेन्नां तोंड उघडून हासत आपण्यालें भितर–भांयर, मागशीं–मुखार, पयलें किंवा नंतर, सर्व स्रिश्टी व्यापून काडचें दुर्लभ साक्षात्कार यशोदेक जालो – ''न चांतर्न बहिर्यस्य न पूर्वं नापि चापरम् । पूर्वापरं बहिश्चांतर्जगतो यो जगच्चा यः ॥''. जेन्नां कौरव सभेंतु दुर्योधनान कृष्णाक बंधनांतु घेवचाक प्रयत्न केलो तेन्नां ताका आनि सभेंतले कौरवांक कृष्णान विश्वरूप दाखोवनुं आपण्याले असामन्य शौर्य, वीर्य आनि सामर्थ्य – ''एकोऽहमिति यन्महोअन्मन्यसे मां सुयोधन । परिभूय सुदुर्बुद्दे ग्रहितुं मां चिकीर्षसि ॥ इहैव पांडवाः सर्वे तथैवान्धकवृष्णयः । इहादित्याश्चरुद्राश्च वसवश्च महर्षिभिः ॥ एवामुक्त्वा जहासोच्चैः केशवः परवीरहा । तस्य संस्मयत श्रेर्विद्युद्रूपा महात्मनः ॥ अंगुष्टमात्रस्तिदशा मुमुचुः पवकार्चिषः । तस्य ब्रह्मा ललाटस्थो रुद्रो वक्षसि चाभवत् ॥ लोकापाला भुजेष्वासन्नग्निरस्यादजायत । आदित्याश्चैव यक्षाश्च गंधर्वोरगराक्षसाः ॥ प्रादुर्स्तां तथा दोर्भ्यां संखर्षणधनंजयौ । दक्षिनेऽथार्जुनो धन्वी हलि रामश्च सव्यतः ॥ ... शंखचक्रगदाशक्तिशार्गलांगनम्दकाः ॥ अदृश्यंतोधतान्येव सर्वप्रहरणानि च । नानाबाहुषु कृष्णस्य दीप्यमानानि सर्वशः ॥'' म्हण्णुं जालिलो. तें अद्भुत दृश्य पोळोवनुं जमिले राजांनि दोळे बंद करनुं घेतले. द्रोण, भीष्म आनि विदुरान सुद्धां पयलें दोळे झांकले पुण कृष्णाले अनुग्रहाक लागून ताणीं दोळे उघडुन तें अद्भुत दृश्य पळयलें. आश्चर्यांतु आश्चर्य म्हळयार जन्मान अंध आशिल्लो धृतराष्ट्राक सुद्धां कृष्णाले कृपादृश्टीक लागून थोडे समय तें अलौकिक दृष्य पोळोवचें भाग्य लाभलें. महाभारत युद्धा नंतर द्वारकेक परत वचताना उत्तंक भार्गव मुनीक – ''सहस्रसूर्यप्रतिमं दीप्तिमत् पावकोपमम् ॥ सर्वमाकाशवृत्य तिष्ठंतं सर्वतोमुखम् । तद् दृश्ट्वा परमं रूपं विष्णोर्वैष्णवमद्भुतम् । विस्मयं च ययौ विप्रस्तं दृश्ट्वा परमेश्वरम् ॥''. दाखयिलें विश्वरूप पोळोवनुं भांभावनुं गेलिलो उत्तंक ऋशीक तें रूपमैश्वर्य कवटाळनुं घेवनुं परत प्रकृतिक रूप दाखयलें – ''संहरस्य पुनर्देव रूपामक्षय्यमुत्तमम् । पुनस्त्वां स्वेन रूपेण द्रश्टूमिच्छामि शाश्वतम् ॥''.

ध्यानंतु आसचाक जाय किं अर्जुन पूर्वकाळांतु नर रूपान बदरींतु पयलें नारायणाले सहवासांतु तप केलिलें आसल्यारियी, द्वापर युगांतु क्षत्र गुण स्वभावान जन्म घेवनुं तीन लोकंतु शूर योद्धा म्हण्णुं अभीमानी क्षत्रिय आसल्यारियी ध्यानांतु दवरका किं तो क्र्ष्णालो मित्र, सखा, संबंधी आसून तांगेलि मैत्रि आयजचि न्हंय, काळाचे पेलतडेनचि युग युगांतलि आशिल्लि. अर्जुनान श्रद्धावान् जावनुं तागेलें कुतूहल तितीक्षतेंतु परिवर्तन जावचे क्षणाचि वाट कृष्ण अतुरतायेन पळयत आशिल्लो. सर्व साधारणतः स्वतःचे आवय–बापय, भाव–भयणीं मुखार विश्वासान आपण्याले मन उघडचाक जितलो मनुष्य आतुर आसना तितलो आपण्याले मित्राक मन आनि अंतःकरण उघडचाक कृष्ण आतुर आशिल्लो. देकून अर्जुनाले वचन आयकून ताका सुखदानंद जालो. आनि कसलोयी विलंब किंवा क्षण व्यय करत नासताना म्हळ्ळें – ''पश्य मे पार्थ रूपाणि शतशोऽथ सहस्रशः । नानाविधानि दिव्यानि नानावर्णाकृतीनि च ॥ पश्यादित्यान् वसून् रुद्रानश्विनौ मरुतस्थथा । बहून्यदृश्टपूर्वाणि पश्याश्चर्याणि भारत ॥ इहैकस्थं जगत्कृत्स्नं पश्याद्य सचरचरान् । मम देहे गुडाकेश यच्चान्यद्द्रश्टुमिच्छसि ॥''.

कृष्ण जाणता किं अर्जुनाक भौतिक रूप पोळोवचें सहजा सहज साध्य आशिल्यान ताका कृष्णाले रूपमैश्वर्याचो साक्षात्कार करनुं घेवचें कुतूहल आसा. पुण स्रिश्टींतु, संसारांतु अकारण कांयी घडना, कारणा शिवाय कांयी मेळना. मागिल्ले शिवाय कांयि मेळना. इच्छा आसा म्हण्णु जें मागचांतु येता तें प्राप्त जाता अशें ना. मागिल्लें आसल्यारियी अवश्यकता, क्षमता आशिल्लें शिवाय परमात्मा कांयी दीना. अर्जुन कृष्णालो सखा, मित्र आसल्यारियी जे तरेन सूर्याले अमोघ शक्ति, तेज आनि झगमगचे प्रकाशाक लागून सर्व स्रिश्टी सृजन जालिलि दिसता पुण सूर्यालें अध्यात्मिक ब्रह्मस्वरूप दीसना ते तरेन कृष्णाले भौतिक रूप दिसत आसल्यारियी

मनावयर इंद्रियांचे आकर्षण आनि अज्ञानाक लागून अध्यात्मिक विराट, विशाल, व्यापक स्वरूपैश्वर्य पोळोवचें सहज, सरळ, शक्य जावचें ना.

अर्जुनाक कुतूहल आसा पुण आवश्यक आशिल्लि तितीक्षा अंतःकरणांतु अजून जागी जालिलि ना. देकून परमात्माले लागीं जें मागल्या तें ताका आवश्यक आसा किं ना, तें घेवचाक तागेले लागीं साधनं आसा किं ना आनि साधन आसल्यार घेवचाक क्षमता आसा किं ना तें पोळोवचें पडता. साधनं नासल्यार उपलब्ध करनुं दीवचें, क्षमता नासल्यार सक्षम करनुं मनांतलो विश्वास श्रद्धेंतु स्थिरावचें पडता. कारण कठ उपनिषद सांगता किं परमात्माले अध्यात्मिक अपरोक्ष रूपमैश्वर्य प्राकृतिक इंद्रियांक उपलब्ध जायना, केवल मन श्रद्धावान् जावनुं परमात्माक शरण गेलिले भक्तांक अंतःकरणांतु ते अमृताचो स्वाद घेवचें शक्य आसता – ''न संदृशे तिश्ठति रूपमस्य न चक्षुषा पश्यति कश्चनैनम् । हृदा मनीषा मनसाभिक्लुप्तोय एतद्विदुरमृतास्ते भवंति ॥''.

सामान्यतः मनुष्यालि द्रिश्टि भितरले तत्वा वयर नासताना भायरचे स्थूल आकारा वयर केंद्रित जायत आशिल्यान कृष्ण आपण्यालें अनिर्वचनीय, अवर्णनीय असीम रूपमैश्वर्य पोळोवचाक जावचें ना – ''न तु मां शक्यसे द्रश्टूमनेनैव स्वचक्षुषा । दिव्यं ददामि ते चक्षुः पश्य मे योगमैश्वरम् ॥'' म्हण्णुं अर्जुनाक आवश्यक आशिल्लि दिव्य द्रीश्टी उपलब्ध करनुं दिता. ''देखनेसे दीखना है स्वाभाविक । ना कछु इसमें विस्मय जनक । किंतु न देखते भी दीखना एक । महादाश्चर्य ॥ श्री कृष्ण विश्वतोमुख स्वभावसे । दर्शनार्थि जो पार्थकी प्रार्थमासे । विश्वरूप हुवा है संपूर्णतासे । इस समय ॥ दीप या सूर्य–तेजमें है देखती । वह दिव्यदृश्टि ऐसी नहीं थी । दी जो श्रीकृष्णने ॥'' (ज्ञानेश्वर).

संजय सांगता किं पयलें केन्नांयी पळयनाशिल्लें कृष्णाले तें भव्य, सर्व–व्यापक रूपमैश्वर्य पोळोवनुं अर्जुनाले अंतःकरण भयान थरथरलें. कारण जें रूपमैश्वर्य कृष्णान दाखयलें तें रूप सहस्र सूर्य एक क्षणांतु झगमगल्यार जितलो प्रकाश पसरतालो तितले प्रकाशाचे तरेन परमात्मालो स्वरूपाचो साक्षात्कार जालो – ''दिवि सूर्यसहस्रश्च भवेद्युगपदुत्थितः । यदि भाः सदृशी सा स्याद्भासस्थस्य महात्मनः ॥''. तो साक्षात्कार वैदुक ऋशींक जालिले तरेन 'ज्योतीषां ज्योतिस्वरूप', 'आदित्यवर्णं तमसळ् परस्तात्', 'सर्वस्य धातारं अचिंत्यरूपं', 'तस्माद् वै विद्वान् इदं ब्रह्मएति मन्यते । सर्वा ह्यस्मिन् देवता गावो गोष्ठ इवासते ।' जालो.

''जागृत हुवा ब्रह्मानंद अंदर । शरीर बल खोया यहां बाहर । डूबा आनंद पुलकमें शरीर । अपाद–मस्तक ॥ वर्षाका जैसे प्रथम काल । सर्वांग हरा होया है शैल । वैसे रोम–कूपमें सकल । खिले रोमद्रुम । स्पर्श होते ही चंद्रकिरण । होता सोम–कांतका द्रवण । तन पर वैसे स्वेद–कण । उमड आये ॥ ... उदित होते ही सुधाकर । सानंद उमडता सागर । बार बार वैसे उर्मि भर । आती हृदयमें ॥ .. मुख कर बैठा था जिस ओर । उसी ओर मस्तक नवाकर । प्रणाम किया हाथ जोड कर । और किया स्तवन ॥ ... प्रकटे जो दिव्यचक्षु फ़िर । ज्ञान–दृश्टीका फ़ुटा अंकुर तथा दिखाया है सविस्तर । ऐश्वर्य योग ॥ अवतार है ये जो सकल । उस महासिंधुके कल्लोल । विश्व दीखता है मृगजल । उसके किरणोंसे ॥ ... प्रकट हुवा यकायक योगैश्वर्य । कल्पांतमें होता जैसे जल–प्रलयमें । विस्मयमें डूबा चित्त उस समय । धनंजयका ॥ .. मिट गया दिशांओंका नाम–निशान । तना नहीं होता अध–ऊर्ध्वका ज्ञान । जागृतीसे लुप्त होता है स्वप्न । वैसे लोकाकार ॥ जैसे अनेक सूर्य–तेज प्रताप । करता स–चंद्र तारांगण लेप । वैसे निगल गया है विश्वरूप । प्रपंच सर्वस्व ॥ .. केवल वहां स्तब्ध स्तब्धता । एकाग्र है स्वयं एकाग्रता । पडी जैसे संमोहनावस्था । विचारोंपर ॥ ... देखना इन्ही नयनोंसे । विश्वरूप संपूर्ण ऐसे । यह दुलार भी कृष्णसे । हुवा पूर्ण ॥ .... देखता तब वहां अनेक वचन । जैसे रमा–रमणके राज–भवन । प्रकट हुए अनेकानेक निधान । लवण्य श्रियाके ॥ या आनंद–वनमें आया बहार । या सौंदर्य राज्य मिले है अपार । वैसे देखता वदन मनोहर । श्री हरीका ॥ उसमें भी ये जो अनेक । सहज अति भयानक । प्रलय–रात्रीके कटक । उठ आया है ॥ या मृत्युके मुख उत्पन्न । भयके दुर्ग रचे विभिन्न । या प्रलयाग्नीके ये हवन– । हवन कुंड खुले ॥ ... ज्ञान–चक्षुसे किया अवलोकन । किंतु न होता मुखोंका अंत न जान । स–

कौतुक देखने लगा नयन । विश्व–रूपके ॥  जैसे कृष्ण मेघ–घटाओमें । कौंधती बिजली प्रलयमें । वैसी देखी भ्रूभंग  तलमें । पोंगलानलकी ॥ ... नही होता जो वेदको आकलन । उसका सकलावयव दर्शन । एक समान करते हैं नयन । धनंजयके ॥ ... शरीर था वही अलंकार । जो है हाथ वही हथियार । जो है शरीरी वही शरीर । स–चराचरमें वही ॥ .. फ़िर कालकूटके कल्लोलके तरंग । अथवा विद्युर्वनके विस्फ़ुल्लिंग । दीखते है कर–पल्लव अभंग । उचितायुध–युक्त ॥ ... ऐसी श्रुंगार शोभा देखकर । विस्मित–सा रहा पांडुकुमार । यह भी न समझा देखकर । देव बैठा है या सोया है ? ॥ दृश्टि खोलकर देखता बाहर । जब वही विश्व–रुप सभी ओर । आंख मूंदकर देखता ऊपर । तब भी वही रूप ॥ सम्मुख देखें मुख अगणित । पीछे मुड देखा हो भयग्रस्त । वहां भी वही मुख पाया हाथ । तथा दिव्य–रूप ॥'' (ज्ञानेश्वर).

संभ्रामांतु पडिले अर्जुनाक कृष्णालें अद्वितीय, भव्य, विशाल, विराट रूपमैश्वर्य पोळोवनुं आश्चर्य जालें इतलेंचि न्हंय तर तागेले काळीज व्याकूळ आनि  मन भयान थरथरलें आनि संभ्रमांतु पडलें. अर्जुनाक सहस्र सूर्य तरेन झळकचे अनकालनीय रूपमैश्वर्य पोळोवनुं ताका कसलेंयि समजलें ना. परमात्मा तितलेंचि सांगता जितलें सांगिल्लें मनुष्य सामजून आत्मसात् करचाक सक्षम आसता. जर कृष्णान अर्जुनाक तागेलें निराकार रूप्मैश्वर्य दाखयलें तर ताका कारण आसा. कृष्णाक दाळोवनुं दिवचें आशिल्लें किं अर्जुनान ताका मित्र, सखा, संबंधी म्हण्णुं सनजचें तें तागेले वर्तमना कळंतु उपयोजनेंतु हाडिल्ले स्थूल रूप–आकार आसा, तागेलें अंतिम निराकार अस्तित्व न्हंय.

कृष्णान अर्जुनाक दिव्य द्रिश्टि दिलिलि आसल्यारियई अर्जुनाले मन भूत काळा पासून मना वयर प्रभावित जालिले सामाजिक, सांस्कृतिक संस्कार आनि धार्मिक धारणेन प्रभावित जालिलें. देकून तागेलि प्रतिक्रिया परंपरेक लागून पूर्वऋशींकसाक्शात्किआर जलिले तरेन आशिल्लि. ध्यानांतु दवरका किं मनुष्य आपण्याले समाज, संस्कृति, धार्मिक विचार, परंपरा, इतिहसा पासून वेगळो आसू शकना. देकून तागेलि देअ विशय आशिल्लि कल्पना तागेले मनावयर समाज, संस्कृति, धर्म, परंपरा, इतिहसा वयर् निर्भर आसत. देकुन हिंदु धर्माचो मनुष्य भारतंतले समाजांतु मान्य आशिल्ले रूप–आकारं तरेन पळयता, पाश्चात्य जन पाश्चात्य समाजांतु मान्य आशिल्ले रूप–आकारं तरेन पळयता.

पूर्व जन्मांतु नर रूपान प्राप्त जालिले ज्ञान विज्ञान विस्मरण जालिल्यान अर्जुन मनाचे द्वार बंद आशिल्यान कृष्णाले व्यापक, अप्राकृतिक, अलौकिक, अध्यात्मिक साक्षात्कारान मन परिवर्तन जालिलें ना. कृष्णालो साक्षात्कार पूर्ण तरेन आत्मासात् करू शकलो ना. ताका परमात्माले ज्ञान, ऐश्वर्य, शक्ति, बल, वीर्य, आनि तेज हे षड्गुणांचो अपरोक्ष ज्ञानोदय जालो ना. ते साक्षात्कारांतु, खंय कसलोयी भेद आसना, खंय कोणियी हें भांगर आसा हि माती आसा म्हण्णु सांगू शकनांचि, खंय भूत, वर्तमान आनि भविष्यकाळ विसर्जन जाता, खंय अर्जुनाक स्वत:चे आत्मरूपान आशिल्लें अस्तित्व भिन्न आसना,  कृष्णाले रुप–आकाराचे मागशीं आशिल्लें परम तत्व जाणवलें अशें दिसून आयलें ना. उपनिषदांतु सांगिल्ले तरेन उदका तरेन पारदर्शक जालो ना, किंवा तागेले मनांताले इच्छा, कामना विसर्जन जावनुं तो अमृतत्व प्राप्त जावनुं बह्मस्वरूप जालो ना, किंवा परमात्मांतु विलीन जावनुं शांत, समाहित जालो ना. परमात्मालें दर्शन जालें म्हण्णुं तो संसारांतल्यान जीवनमुक्त जालो ना.

अर्जुनाक जें दिसलें तें परंपरेक लागून मान्य जालिले तरेन परमात्माले अनेक तोंड, दोळे, भुजांचे अद्भुत, विंग–विंगड दिव्य आभरणांनि आनि शस्त्रांनि शोभचें, अस्त्र–शस्त्र धारण केलिले परमात्माले विराट, अत्यंत आश्चर्यजनक अधिदैविक आकारांतु दिसलें – ''अनेक वक्त्रनयनमनेकाद्भुतदर्शनम् । अनेकदिव्याभरणं दिव्यानेकोद्यतयुधम् ॥ दिव्यमाल्यांबरधरं दिव्यागंधानुलेपनम् ॥ सर्वाश्चर्यमयं देवमनंतं विश्वतोमुखम् ॥''. तें अत्यद्भुत रूप पोळोवनुं तो हात जोडनु, माथें वाकून नमस्कार करत म्हणालो – ''तत्रैकस्थं जगत्कृत्स्नं प्रविभक्तमनेकधा ।

अपश्यद्देवदेवस्य शरीरें पांड्वस्तदा ॥ ततः स विस्मयविश्टो हृष्टस्रोमा धनंजय : । प्रणम्य शिरसा देवं कृतांजलिरभाषत ॥''.

ताणें कृष्णाक म्हळ्ळें – ''पश्यामि देवांस्तव देव देहे सर्वांस्तथा भूतविशेषसंघान् । ब्रह्माणमीशं कमलासनस्थमृषींश्च सर्वानुरगांश्च दिव्यान् ॥ अनेकबाहूदरवक्त्रनेत्रं पश्यामि त्वा सर्वतोऽनंतरूपम् । नांतं न मध्यं न पुनस्तवादिं पश्यामि विश्वेश्वर विश्वरूप ॥ ... पश्यामि त्वां दुर्निरीक्ष्यं समंताद् दीप्तानलार्कद्युतिमप्रमेयम् ... पश्यामि त्वां दीप्तहुताशवक्त्रं स्वतेजसा विश्वमिदं तपंतम् ... दृश्ट्वाद्भुतं रूपमिदं तवोग्रं लोकत्रयं प्रव्यथितं महत्मन् । ... रूपं महत्ते बहुवक्त्रनेत्रं महबाहो बहुबाहुरुपादम् । ... नभःस्पृशं दीप्तमनेकवर्णं व्यात्ताननं दीप्तविशालनेत्रम् । दृश्ट्वा हि त्वां प्रव्यथितांतरात्मा धृतिं न विंदामि शमं च विष्णो ॥''.

जेन्नां अर्जुनान कृष्णालें तेजःपुंज आशिल्लें अनेक मुख, अनेक नेत्र, भुजादि अवयावांचे, विकराळ दांतांचे, प्रलय काळांतले अग्नी तरेन भगभगचे अवर्णनीय उग्र आनि अद्भुत दिव्य रूप, खंय ब्रह्मादि देवगण, जीव आनि भूतजातींचो विस्तार, धर्तरि, दिशा, आकाश आनि मदलो अवकाश पळयलो. अध्यात्मिक रूप इतलो व्यापक आनि अनपेक्षित आशिल्लो अर्जुनाक आपूण परमात्मालोचि एक अविभाज्य अंश आसा हो अनुभव जालो ना तर तें पोळोवनुं आश्चर्य आनि भय दिसलें. दिशा दिसलि ना, शुद्धि, बुद्धि तो विसरलो. खंय पोळोवचें, खंय न्हंय, कसलें पोळोवचें आनि कसलें न्हंय म्हण्णुं कळत नासताना तागेले मन विलक्षण संभ्रमांतु पडलें.

अजून युद्ध सुरु जालें ना, कोणिंयी मेलिले नांचि, भीष्म, द्रोण, कर्ण कौरव सर्व अजून रणांगणावयर जीवंत उभे आसाचि. तरियी अर्जुन परमात्मालें भयंकर, अनपेक्षित, अलौकिक रूप, जशें कांय देवांलो देव जीभेन मिटक्यो मारत कौरव आनि तांगेले सैन्य नाश करत आसा. तो म्हणता – ''दंष्ट्राकरालानि च ते मुखानि दृष्ट्वैव कालानलसन्निभानि । दिशो न जाने न लभे च शर्म प्रसीद देवेश जगन्निवास ॥ अमी च त्वां धृतराष्ट्रस्य पुत्राः सर्वे सहैवावनिपालसंघैः । भीष्मो द्रोणः सूतपुत्रस्तथाऽसौ सहास्मदीयैरपि योधमुखैः ॥ वक्त्राणि ते त्वरमाणा विशंति दंष्ट्राकरालानि भयानकानि । केचिद्विलग्ना दशनांतरेषु संदृष्यंते चूर्णीतैरुत्तमांगैः ॥ .. लेलिह्यसे ग्रसमानः समांतल्लोकान् समग्रान् वदनैर्ज्वलद्धिः । तेजोभिरापूर्य जगत् समग्रं भासस्तवोग्राः प्रतपंति विष्णोः ॥''.

मन संभ्रमांतु पडिले अर्जुनान कृष्णालें हे विचित्र, विशाल, व्यापक आनि अनकालनीय रूपमैश्वर्य पोळोवनुं आश्चर्यान विचारलें – ''आख्याहि मे को भवानुग्ररूपो नमोऽस्तु ते देववर प्रसीद । विज्ञातुमिच्छामि भवंतमाद्यं न हि प्रजानामि तव प्रवृत्तीम् ॥''. ''कैसा है देव ! यह विधि विधान । मेरी मांगसे वीश्व–रूप–दर्शन । करता वह विश्वका निकंदन । चाहता था मैं शांति ॥ तूने कही पहले उपपत्ति । बताई थि यहां कुछ विभूति । छोडके वह मैं हो मंदमति । मांगा दर्शन ॥ होनी है जो त्रिकालमें भी नहीं चुकति । बुद्धिबी उसका आनुकरण करती । मेरे दैवमें अजी ! यही बात बधीथी । उसका उपाय अक्या ॥ अमृत भी पहले अहात आया । देवोंको उससे तोष न भया । फ़िर कालकूटको जन्म दिया । अंतमें जैसे ॥'' (ज्ञानेश्वर).

कृष्ण गंभीर् अवाजांतु म्हणालो किं तो लोक क्षय करचाक प्रवृद्ध आनि कोणांलेयि मदती शिवाय जमिले योद्धांक नाश करनुं तांका स्वतःतु समावेश करनुं घेवचो काळ – महाकाळ आसा – ''कालोऽस्मि लोकक्षयकृत् पवृद्धो लोकान्समाहर्तुमिह प्रवृत्तः । ऋतेऽपि त्वा न भविष्यंति सर्वे येऽववस्थिताः प्रत्यनीकेषु योधाः ॥''. काळ मूळांतूचि प्रामुख्यान सुरवात किंवा अंत नाशिल्लो अव्याकृत सनातन पूर्ण परमात्मा आसा. परमात्माले संकल्प, उद्देश, लक्ष्य ऋतु नियमाचे रूपान संसारांतु भौतिक पतळीवयार समय आनि मृत्यु हे अर्थान व्याकृत जावनुं स्रिश्टींतु नित्य, निरंतर भूत काळांतु घडलें, वर्तमान काळांतु घडत आसा, भविष्य काळांतु जें घडचें आसा तें प्रवाह रूपान बदलत, रूपांतर, परिवर्तन करत आसता. कर्माध्यक्ष्याचे भूमीकेवयल्यान परमाता प्रत्येकालें पूर्व जन्मांतले कर्मानुसार तांका नवें रूप–आकाराचें शरीरांतु जन्म दिवचांतु येता. काळ समयाक लागून स्रिश्टींतु प्रत्येक घटना घडताचि, सूर्य पूर्वदिशेन उदयाक येवनुं पश्चिमेंतु अस्त जाता, रात्रीचो काळोख विसर्जन करनुं दिवसाचो प्रकाश पसरायता, चंद्र शिततलता पसरायता, वारो व्हांवत समुद्राक भरति–सुकति हडता, ऋतु

बदलत वातवरणांतु सर्दि, गर्मि, पावूस, थंडि पडता, पेरिलें बींय सस्य जाता, सस्य झाड जाता, जाड फ़ुलता, फ़ूल फ़लता, पुरुष, पशु, पक्षि प्रजोत्पादन करचाक उन्मत्त जाताचि, गर्भ धरता, प्रजोत्पादन जाता, प्रजा तारुण्यांतु येता, सृजन जाता, विसर्जन जाता. समयाक लागून गुण स्वभाव मनुश्याक भ्रमांतु घालताचि. एक म्हणता आपूण मारता; एक म्हणता आपूण मरता – ''कालेन शीघ्राः प्रवहंति वाताः कालेन वृश्टिर्जलदानुपैति । कालेन पद्मोत्पलवज्जलं च कालेन पुश्यंति वृक्षाः ॥ कालेन कृष्णाश्च सिताश्च रात्यः कालेन चंद्रः परिपूर्णबिंबः । नाकालतः पुष्पफ़लं द्रुमाणां नाकालवेगाः सरितो वहंति ॥ नाकालमत्ताः खगपन्नगाश्च मृगद्विपाः शैलमृगाश्च लोके । नाकालतः स्त्रीषु भवंति गर्भा नायान्त्यकाले शिशिरोष्णवर्षाः ॥ नाकालतो म्रियते जायते वा नाकालतो व्याहरते च बालः । नाकालतो यौवनमभ्युपति नाकालतो रोहति बीजमुप्तम् ॥ ... सर्वानेवैष पर्यायो मर्त्यान् स्पृशंति दुःसह । कालेन परिपक्वा हि म्रियंते सर्वपार्थिवाः ॥ .. हंतीति मन्यते कश्चिन्न हंतीत्यपि चापरः । स्वभावमस्तु नियतौ भूतानां प्रभवप्ययौ ॥'' (महाभारत).

नियती स्विकारचें म्हळयार परमात्मालो संकल्प, उद्देश, लक्ष्य ऋतूचे रूपान प्रमाणित जावचें मान्य करनुं पालन करचें आसता. नियतीचे विपरीत कसलेंयि कर्म केल्यार तें घातक आसता म्हण्णुं मान्य करनुं तें कर्म व्यर्ज करचें आसता. नियतीक लागून मानव धर्माचें मूळ आधार स्तंभ रूपान कर्म–धर्म सांभाळचो आसल्यार संसारांतु आसून सांभाळचें, सन्यास घेवचो आसल्यार संसार सोडनुं अनिकेत, परिव्राजक, सन्यासी जावचें, युद्ध करचें पडल्यार शस्त्र हातांतु घेवनुं क्षत्रिया तरेन रणांगणांतु युद्ध करचें आसता. हे तरेन कर्म केल्यार तें स्वगुण स्वाभावानुसार स्वकर्म आनि स्वधर्म जवनुं युद्धांतु पांडव जिंकले, कौरव हरले तर तें नियतीक लागून आसता. ''कौरव मरते और मैं मारता । अर्जुन ऐसे मोहग्रस्त हुवा था । श्रीकृष्णको उसे दूर करना थाअ । यह रूप दिखाके ॥ अजी कोयी किसीको न मारता । मैही सबका संहारा करता । विश्वरूप निमित्तसे बताता । यहां श्रीहरि ॥ मही जाननेसे यह बात । पार्थ हुवा है व्याकुलाचित्त । तथा कांपता रहा है व्यर्थ । देखके रूप ॥'' (ज्ञानेश्वर).

जन्माक आयिले जीव स्वतःक लागून मरनांचि किंवा मारनांचि. प्रजापतीन निर्माण केलिलि शक्ति, विधान, ऋतु यम नियमांक लागून मरताचि, मारताचि, विना कारण कोणिंयी मरनांचि किंवा मारनांचि. काळाक लागून मृत्यु हातांतु दंड घेवनुं मनुष्यांले शरीरांतल्यान जीवाक मुक्त करनुं आपण्याले कर्मानुसार परत प्रयत्न करचाक संधि प्राप्त करनुं दिता. देकून ज्ञानी जन शरीर नाश जालिल्यान शोक करनांचि – ''प्राप्ते काले संहरंती यथावत् स्वतं कृता प्राणहरा प्रजानाम् ॥ आत्मानं वै प्राणिनो घ्नंति सर्वे नैतान् मृत्युर्दंडपाणिर्हिनस्ति । तस्मान्मृतान् नानुशोचंति धीरा मृत्युं ज्ञात्वा निश्चयं ब्रह्मसृश्टम् ॥''.

किंबहुना भीष्म, द्रोण, कर्ण, जयद्रथ सर्व पयलेंचि नियतीक लागून मेलिले आसाचि, अर्जुन केवल निमित्त मात्र आसता. कौरवांले पतनाक किंवा पांडवाले यशाक कौरव किंवा पांडव कारण नांचि, केवल परमात्मा नियतीचे रूपान कारण आसता – ''तस्मात्त्वमुत्तिष्ठ यशो लभस्व जित्वा शत्रून्भुंक्ष्व राज्यं समृद्धम् । मयैवैते निहताः पूर्वमेव निमित्तमात्रं भव सव्यसाचिन् ॥ द्रोणं च भीष्मं च जयद्रथं च कर्णं तथान्यानपि योधवीरान् । मया हतांस्त्वं जहि मां व्ययिष्ठा युद्धस्व जेतासि रणे सपत्नान् ॥''. ''द्रोणकी परवाह न कर । भीष्मका भयभी न धर । न सोच तू कैसे कर्णपर । पाऊं विजय ॥ कौन उपाय जयद्रथ पर । करना उसकी चिंता न कर । तथा यहां है जो महावीर । प्रसिद्ध महावीर ॥ ... अब तू उठ दनुर्धर मेरे मारे हुवोंको मार । व्यर्थका हि शोक न कर । अब तू यहां ॥''. देकून अर्जुनान ऊठका, युद्ध करका, यश प्राप्त करनुं राज्य सांभाळका.

मनुष्य सर्व साधारण भूत काळांतु जें जालें तें विसरता, वर्तमान काळांतु जें जायत आसा तें समजून घेना, आनि भविष्य काळांतु जें जावचें आसा तें ताका अज्ञात आसता. जीवनाचे प्रवासांतु जीवालें कर्त्यव्य कर्म, प्राप्त काळ–समायानुसार निमित्त–मात्र जावनुं करचें इतलेंचि मनुष्याले दायित्व आसता. तेन्नांचि जीवन विकसित जावनुं परमात्माले दिव्य कार्यांतु मन्ष्य सहभाग जाता. जीवनांतु येवचें सुख–दुःख, श्रेय–प्रेय, पुण्य–पाप,

समाधान–असमाधान, यश–अपयश हे सर्व प्रत्येकान केलिले कर्मानुसार कर्माध्यक्षाचे भूमिकेवयल्यान प्रदान करत आशिल्यान जें येता तें आपण्याले कर्माचे फ़ल म्हण्णुं स्वीकारचें आसता. जो परमात्मालि नियती स्वीकारता तो स्वधर्म आनि स्वगुण स्वाभावाक लागून कर्म करत ऊर्ध्वगतीचे मार्गान परमात्मालें परम पद प्राप्त करता. आनि जो परमात्मालि नियती स्वीकारता तो जो परमात्मालि नियती स्वीकारना ते अधोगतीचे मार्गान अंधंकार आनि अज्ञानाचे जीवन प्राप्त करता. देकून अर्जुनान योगनिष्ठ जावनुं, म्हळयार स्वधर्म आनि स्वगुण स्वाभावाक लागून इच्चा कामनेन प्रभावित जाय नासताना युद्ध–कर्म करत – ''योगस्थ कुरु कर्मणि संगं त्यक्त्वा धनंजय । सिध्यसिध्योः समो भूत्वा समत्वं योग उच्यते ॥'' कौरवां वयर विजय मेळोवनुं राज्य करचाक जाय.

ध्यानांतु आसचाक जाय किं अर्जुनाक कृष्णाले निरकार बिंबाचो साक्षात्कार जालिलो खरो. पुण कृष्णाले हें अनकालनीय रूपमैश्वर्य अर्जुनान पयलें केन्नांयी पळयिलें नाशिल्लें किंवा हे तरेन गंभीर अवाजान आनि शब्दान उलयिलें पयलें केन्नांयी आयकलें नाशिल्लें. देकून व्यापक परम तत्व आत्मासात् जावनुं मन मौनावस्थेंतु निःशब्द, शांत, समाहित, पारदर्शक जालें ना. कारण शांति मनाचि इच्छा न्हंय तर परिस्थितीक प्रतिक्रियाचे रूपान प्राप्त जावचि अनाचि अवस्था आसता. देकून इच्छा असल्यारियी जनांक शांत जावचें साध्य जायना, तेन्नां संभ्रमांतु आशिल्ले अर्जुनालें मन शांत कशें जातालें ? ताका खंयचे बाजून नमस्कार करूं, खंयचे तरेन क्षमा मागूं, खंयचे तरेन तागेले दयेक पात्र जावूं, हें समजलें ना. देकून कंठ सगद्गद जावनुं, भीत भित, परत परत नमस्कार करत, अनुग्रहाचि प्रार्थना करता – ''एतच्छ्रुत्वा वचनं केशवस्य कृतांजलिर्वेपमानः किरीटि । नमस्कृत्वा भूय ऐवाह कृष्णं सगद्गदं भीतभीत प्रणम्य ॥''.

नमस्कार एक पटें केल्यार पुरो आशिल्लो. पुण अर्जुन जो नमस्कार करता तो शरण रूपान न्हंय तर परमात्मालें भयंकर निराकार पोळोवनुं भयान केलिलो आसता. जर नमस्कार आत्मनिवेदन म्हण्णुं केलिलो आसल्यार तो प्रार्थनेंतु आनि परमात्माक शरणागतींतु परिवर्तन जायत आशिल्लो. पुण परमात्मा सर्व दिशेन पसरिल्यान खंचेयि दिशेन पळयल्यारि परमात्मा आसता. सर्व दिशा तागेले अस्तित्वचि निदर्शन करताचि. देकून खंयचेयी दिशेन, खंयचेयि तरेन नमस्कार केल्यारि तो अपूर्ण आसतालो.

परमात्मा तितलेंचि सांगता जितलें सांगिल्लो मनुष्य सामजचाक सक्षम आसता. कृष्णाक आपण्यालें सहस्र सूर्य तरेन झळकचे अनकालनीय निराकार रूपमैश्वर्य दाखोवनुं अर्जुनाले मनांतलें अज्ञान नाश करचें आशिल्लें, दडपण हाडचें न्हंय. पुण अर्जुनान कृष्णाक मित्र, सखा, संबंधी म्हण्णुं पळयिलें, कृष्णालें अध्यात्मिक रूप न्हंय. देकून अर्जुन अजून आपूण वेगळो कृष्ण वेगळो, आपूण मनुष्य मित्र, सखा म्हण्णुं मान्य केलिलो कृष्ण समाजांतु पुरुषोत्तम म्हण्णुं मानचांतु येवचो असामान्य मनुष्य इतलोचि न्हंय तर साक्षात् आदि किंवा अंत नाशिल्लो महान् शक्तिस्वरूप परमात्मा परब्रह्म जावनुं आसा.

हें आतां सावकाश सावकाश अर्जुनाले ध्यानांतु आयल्यां. देकून केन्नांयी पळयनाशिल्ले महान् रूपमैश्वर्य पोळोवानुं मित्र, सखा समजून सलगीन, प्रेमान, उपहासान किंवा अज्ञानान केलिले वर्तणूकीचे उडगासान, आश्चर्यान आनि भयान मन त्रस्त आनि व्याकुल जालिलो अर्जुन म्हणता – ''सखेति मत्वा प्रसभं यदुक्तम् हे कृष्ण हे यादव हे सखेति । अजानता महिमानं तवेदं मया प्रमादत्प्रणयेन वाऽपि ॥ यच्चाववहासार्थमसत्कृतोऽसि विहारशय्यासनभोजनेषु । एकोऽथवाऽप्यच्युत तत्समक्षं तत्क्षामये त्वाहममप्रेयम् ॥''. किंबहुना कृष्ण तीन लोकांतले सर्व चराचरांचो जन्मदाता आसून सर्वां कडचान जगद्गुरु म्हण्णुं पूजचांतु येता. जेन्नां तागेले तसले प्रतिभवान अन्य कोणिंयी नांचि तेन्नां तागेले पेक्षां श्रेष्ठ कशें आसू शकताले – ''पिताऽसि लोकस्य चराचरस्य त्वमस्य पूज्यश्च गुरुर्गरीयान् । न त्वत्समोऽस्त्यन्यम्भ्यधिकः कुतोऽन्यो लोकत्रयेऽप्यप्रतिमप्रभावः ॥''. देकून कृष्णान तागेले पयलेचें किरीट, हातांतु चाक्र गदा धरिलें आकर्शक रूप दाखोवनुं तागेले मन शांत करचाक जाय म्हण्णुं प्रार्थना करता – ''अदृश्टपूर्वं हृषितोऽस्मि दृश्ट्वा भयेन च प्रव्यथितं मनो मे । तदेव मे

दर्शय देव रूपं प्रसीद देवेश जगन्निवास ॥ किरीटनं गदिनं चक्रहस्तमिच्छामि त्वां द्रश्टूमहं तथैव । तेनैव रूपेण चतुर्भुजेन सहस्रबाहो विश्वमूर्ते ॥''.

अर्जुनालि ही अनपेक्षित प्रतिक्रिया पोळोवनुं कृष्णाक आश्चर्य जालें. पुण ते तो दाखयना. अर्जुन तागेलो मित्र, सखा जावनुं आसा. देकून कृष्ण गुरु आशिल्ल्यान तागेले काळजांतु मातृ वात्सल्य आनि बापयलो अभिमान आशिल्लो. जर गुरु मनुष्याक भयंकर अंध:काराचे मार्गक्रमण करत प्रकाशाचे दिशेन व्हरता तर आवय–बापय ते अंधकारान चेरडू भित आसाल्यार ताका लागीं घेवनुं सांत्वन करता. कृष्णान गुरूचे पातळीवयलयान विश्वरूप दाखयलें, आतां आवय–बापयले पातळीवयल्यान ताका प्रेम दखोवनुं सांत्वन करचो प्रसंग आयला.

वास्तवांतु कोणींयी कृष्णाले सनातन, अव्याकृत, अविनाशि, निराकार सूक्ष्म सत्य पोळोवचें धाडस करनांचि. मनुष्य जें पोळोवचाक मागता तें कृष्णालें व्याकृत जालिलें स्थूल, शारीरिक मोहक, दिव्य रूप जरी तें काळाक लागून नाश जाता. जर मनुष्याक द्रिश्टी ना तर जें पोळोवचि इच्छा आनि साधनेचें लक्ष आसल्यारियी तें दिसचे ना, जे तरेन कुरड्याक वस्तु पदार्थ हातांतु दिल्यारियी ती वस्तु दीसचि ना. पुण जे मनुष्याक दोळे असल्यारियी द्रिश्टि ना, द्रिश्टि आसल्यारियी पळयना तर परमात्मा प्रत्यक्ष मुखार आसल्यारियी दिसचो ना. तसले मनुष्याक द्रिश्टि दीवनुं किते उपयोग आसतालो ? ''अरे ! ऐसा कैसा तू अंधा अर्जुन । हाथ आया स्वर्गका मेरु महान । कहता है वह ओचा तेरा मन । यह है भ्रम–भाव ॥ रूप है जो मेरा विश्वात्मक । दिखाया तुझे प्रेम–पूर्वक । शंभूने किये तप अनेक । किंतु न पा सका वह ॥ ...फ़िर भी विश्वरूप सरीखा । स्वप्न भी किसीने नही देखा । प्रत्यक्ष मिला जो वह सुख । तुझको यहां ॥''.

कृष्ण कारुण्याचि मूर्त आसता. ताका अर्जुनालि व्यथा जाणवता. कृष्ण सांगता किं तागेलें अलौकिक निराकार विश्वरूपमैश्वर्य आनि तागेले साकार लौकिक कृष्ण रूप हांतूत मूळभूत फ़रक आसना, जो भेद दिसता तो केवल जो भांगरांतु आनि भांगराचे आभरणांतु आसता. देकून तो ताका अर्जवून सांगता किं जें अलौकिक रूपमैश्वर्य ताका दाखयिलें तें तागेले वयर आशिल्ले प्रीतीक लागून दाखयिलें आसा, जें रूप सर्व सामान्यांक प्राप्त जालिलें ना – ''मया प्रसन्नेन तवार्जुनेदं रूपं परं दर्शितमात्मयोगात् । तेजोमयं विश्वमनंतमाध्यं यन्मे त्वदन्येन अन दृश्टपूर्वम् ॥ न वेदयज्ञध्ययनैर्न दानैर्न च क्रियाभिर्न तपोभिरुग्रै: । ऐवंरूप: शक्य अहं नृलोके द्रश्टुं त्वदन्येन कुरुप्रवीर ॥''.

वेद शास्त्र अभ्यासिल्यान, दान, कर्म, तप केलिल्यान तागेलें हें रूपमैश्वार्य सहसा प्राप्त जायना. देकून अर्जुनान तें रूप पोळोवनुं भिवचें कारण ना. तेन्नां अर्जुनाक समाधान आनि सुख दिवचें खातिर कृष्ण ''स्वकं रूपं'' म्हळ्यार अर्जुनाक संसारांतु दिसचें तागेलें मनुष्य रूप दाखोवनुं सांत्वन केलें. ''सुन अर्जुनकी यह बात । विश्वरूप हुवा जो विस्मित । कहता ऐसा अव्यवस्थित । देखा न कोयी ॥ कैसी वस्तु हुयी यह प्राप्त । इस लाबसे न होता मुदित । कैसे भयसे करता बात । सनकी बनकर ॥ .. अपना सर स्व बटोर । खडा किया यह सुंदर । तेरे लिये है धौर्धर । विश्व–रूप ॥ यही जो अपर अपार । स्वरूप मेरा परात्पर । यहींसे सब अवतार । कृष्णादिक ॥ ... तभी यह विश्वरूप महान । इसका तू भय नही मान । अपने चित्तमें ॥ अजी छलक अरहा अमृत सागर । भाग्यसे पहूंचा कोई उसके तीर । अतब मतनेके भयसे तजकर । भागेगा क्या वहांसे ॥ .. अथवा मानो चिंतामणि मिला । इस बोझको उठावूं क्यों भला । कामधेनु पालनेका झमेला । कह छोडेगा कोयी ॥ ... विश्वरूप मेरा निजरूप । वहां बनाकर मन विरूप । प्रेम करता है क्षुद्ररूप । चतुर्भुजसे ॥'' (ज्ञानेश्वर).

कृष्णाले मनुष्यरूप पोळोवनुं अर्जुनाक चेतनाशुद्धि वचून परत आयिले तरेन अत्यानंद जालो. अर्जुनालि सुख समधानाचि प्रतिक्रिया पोळोवनुं कृष्ण ताका सांगता किं जें रूपा ताका दाखयलें आनि जें रूपमैश्वर्य पोळोवचाक देव सुद्धा धडपडताचि, तें सार्वाक प्राप्त जावचें तसलें रूप न्हंय – ''सुदुर्शमिदं रूपं दृश्टवानसि यन्मम । देवा अप्यस्य रूपस्य नित्य दर्शनकांक्षिण:'' केवल अनन्य भक्तीन, शरण गेलिल्यान जाणचें, पोळोवचें

साध्य आसता – ''भक्त्या त्वनन्यया शक्याहमेवंविधोऽर्जुन । ज्ञातुं द्रश्टूं च तत्वेन प्रवेष्टुं च परंतप ॥''. ''यह भी भक्ति है कैसी । वर्षा न जानती जैसी । दुसरा आसता वैसी । धरती बिन ॥ या सकल जल संपत्ति । लेकर सागरमें जाती । जैसे गंगा अनन्यगति । अलय हो मिलती है ॥ ... इंधनसे जैसे अग्नि प्रदीप्त । होनेसे होता इंधन समाप्त । तथा इंधन ही अग्नि बन अव्याप्त । होता है वैसे ॥ सूर्यके अभावसे जैसे अंबर । बन जाता है स्वयं ही अंध:कार । सूर्योदयसे होता है तेजाकार । पूर्णरूपसे ॥ वैसे है मेरा साक्षात्कार । दूरा करताअ अहंकार । तथा मिटता द्वैताकार । सहज भावसे ॥'' (ज्ञानेश्वर).

देकून मनुष्यान सर्व विषय वासना फ़ालचि आसक्ति सोडनुं, सर्व जीवांप्रति कसलोयी द्वेशभाव दवरत नासताना आपण्यालें कर्तव्य कर्म परमात्मान निश्चित केलिलें यज्ञकर्म म्हभ्ण्णुम् केल्यार तो निश्चित परमात्माक प्राप्त करता – ''मत्कर्मकृन्मत्परमो मद्भक्य: संगवर्जित: । निर्वैर: सर्वभूतेषु य: स मामेति पण्डव ॥''. ''अजी ! होता है जो ऐसा भक्त । होनेपे उसका देह–पात । मैं ही हो जाता है अवह पार्थ । पूर्ण रूपसे ॥''

संत तुकारामा सारखो भक्त दिसचाक मेळना. ताणें आपण्यालो अहंकार नाश जावचाक जे तरेन विठ्ठला कडेन प्रार्थना केलि ती अलौकिक आशिल्लि – ''माझीया मीपणावर पडो पाशाण । जळो तें भूषण नाम माझें । पाप नाहीं पार दु:खाचे डोंगर । जालो ये भूमीसी ओझें ॥ ... आणिक किती सांगो ते अवगुण । न वळे जिव्हा कांपे मन । भूतदया उपकार नाहीं शब्दा धीर । विषय लंपट शब्दहीन ॥''. होचि आसता संतांनि दाखयिलो धर्माचो मार्ग जो मनुष्यालो अहंकार, आभिमान विसर्जन आनि सर्व उणींवे पासून मुक्त करनुं परमात्मान सांगिल्लॆ तरेन शरण वच्चाक सक्षम करता – ''सर्वधर्मान् परित्यज्य मामेकं शरणं व्रज । अहं त्वा सर्वपापेभ्यो मोक्षयिश्यामि मा शुच: ॥''.

ooooo



# *अध्याय बारावो*
# *भक्ति योग*

परमात्मा आसा किं ना हें महत्वाचें न्हंय तर परमात्मा आसल्यार तो संसारांतु आत्मसात् कशें जातालो हें महत्वाचें आसता. सामान्यत: जे तरेन तरंगा वयर आसचे वस्तु–पदार्थांक लागून सागराचि सखोलता अज्ञात आसता ते तरेन परमात्माले माया शक्तीक लागून व्याकृत जालिले वस्तु पदार्थांतु रमण करचे जनांक परमात्मालें अव्याकृत अस्तित्वाचि सखोलता अज्ञात आसता. देकून जे तरेन सागराचे तरंगावयर आसचे वस्तूंक दूर केल्यार सागाराचि खोल गहनता ज्ञात जावू शकता ते तरेन अशांत, अस्थिर मनांतल्यान परमात्माले विशय भूत काळांतल्यान सम्ग्रहित जालिले विचार, संस्कार, संकेत, प्रतीक, प्रतिमेंचे रूप–आकार विसर्जन केल्यार शुद्ध, पवित्र जालिले अंत:करणांतु परमात्मालें अव्याकृत निराका अस्तित्व प्रतिबिंबित जावचें अपेक्षित आसता.

मनुष्य आस्तिक किंवा नास्तिक आशिल्ल्यान तांगेले मनांतु इहलोक किंवा परलोक, संसार किंवा परमात्मा विशय कुतूहल–जिज्ञासा, शंका–कुशंका, आस्था–आनास्था आसल्यार–नासल्यार चिंता करचि किंवा निराश जावचें आवश्यक ना. कारण भौतिक पातळीवयर इंद्रियं आनि बुद्धीक लागून प्राप्त जालिलो विचार, आचार, शिक्षण, संस्कार, कुतूहल–जिज्ञासा, शंका–कुशंका, आस्था–आनास्था अध्यात्मिक पातळिवयर साधनं, माध्यम रूपान चिंतन, मनन, ध्यान धारणा करनुं परमातालो अज्ञात ज्ञान–विज्ञान प्राप्त जावचाक उपयोगी आसतचि. किंबहुना मार्ग, माध्यम आनि साधनं प्राप्त आशिल्यान विवेक बुद्दीक लागून द्रिश्टि खंयचे दिशेन केंद्रित् आसचाक जाय हें निश्चित करचें आवश्यक आसता. कारण मार्ग, माध्यम आनि साधनं उपलब्ध आसल्यारियी चूक दिशेन मार्ग चलल्यार लक्ष्य चूक दिशेन सृजन जाव्तालें. योग्य दिशेन केंद्रित जाल्यार नास्तिक सुद्धां आस्तिक जावूं शकता. भौतिक पातळीवयलें शंका, कुशंका, कुतूहल, आनास्था, अश्रद्धा निश्चय, नि:संशय, जिज्ञासा, आस्था, श्रद्धेंतु परिवर्तन जावचें सुलभ, सरळ आनि सुरळीत आसतालें. अपरोक्षानुभूतींतु श्री शंकराचार्य मुमुक्षतेचो अर्थ संसाराचे बंधनांतल्यान कशें आनि केन्नां मुक्तता मेळतालि म्हण्णुं हुरहुर, अस्था म्हण्णुं करताचि – “संसारबंधनिर्मुक्ति: कथं मे स्यात् कदा विधे । इति या सुधृडा बुद्धिर्वक्तव्या सा मुमुक्षता ॥”.

गुरु परमात्मालो दिशेन वाट दाखोवचो मार्गदर्शक आसता. जो पर्यंत शिष्य गुरूले कडचान ज्ञान प्राप्त करत आसता तो पर्यंत शिष्य शिष्य आसता, गुरु गुरु आसता. जेन्नां शिष्य ज्ञान–विज्ञानान सक्षम जाता आनि गुरूले कडचान अजून कांयी घेवचें आसना किंवा गुरूक अजून कांयी दिवचें आसना, तेन्नां शिष्य परमात्मालो साक्षात्कार प्राप्त करचाक सक्षम आशिल्यान शिष्य शिष्य आसचो ना, गुरु गुरु आसचो ना. शिष्य गुरु सादृश्य आदर्श जाता आनि गुरु परमात्म सादृश्य आदर्श जाता.

कृष्णालो प्रवास घोर आंगिरसाले आश्रमांतु “अक्षितमसि, अच्युतमसि, प्राणसंशितमसि” हो उपदेश घेव्नुं सुरु जालो आनि चिंतन, मनन, ध्यान धारणा करनुं विश्वगुरु, पुरुषोत्तम, परमात्मा म्हण्णुं ओळखुवचांतु येवनुं पूर्ण जालो. कृष्ण सामान्य मनुष्य रूपान गुरु न्हंय तर असामान्य व्यक्तिमत्वाचो विश्वगुरु, साक्षात् परब्रह्म परमात्मा आसा. पुण अर्जुनाक अध्यात्मिक पातळी वयलो गुरु पेक्षा कृष्ण भौतिक पातळी वयलो मित्र,

मार्गदर्शक आशिल्लो. देकून कृष्णान परमात्माले अध्यात्मिक पातळीवयर निराकाराचो साक्षत्कार दिवचें पयलें भौतिक पातळीवयर परमात्माले साकार रूप प्रमाण म्हण्णुं मन, बुद्धीन विवेचन आनि विश्लेषण करनुं, तर्क–वितर्क वाद–विवादान करनुं, सामान्य मनुष्यान समजचे तसले शब्दांतु समजावनुं दिलें. पुण मनुष्याले मनांतले द्वंद्व विचारा जो पयंत धृढ आसताचि तो पर्यंत तागेलो अहंकार पातळ जावनुं अंत:करणांतु आशिल्लें परमात्माले अस्तित्व जाणवचें ना.

सर्व सामान्य मनुष्याक संसारांतले सुख–दु:खाचे दडपणाक लागून भौतिक पातळिवयले विचारांचे व्यतिरिक्त वेगळे कसलेंयी विचार सूचनांचि. सुचल्यार खंयचे प्रश्ने ताणें कुतूहलान विचारिल्ले आसाचि आनि खंयचे प्रश्ने ताणें जिज्ञासाक लागून विचारिल्ले आसाचि हें सांगचाक येवचें ना. देकून कृष्णान उत्तर दिवचें जितलें महत्वाचें आसता तितलेंचि अर्जुनान विचारिले प्रश्ने महत्वाचे आसताचि. ध्यानांतु आसाचाक जाय किं जे प्रश्ने अर्जुन विचारत आसा ते सर्व वास्तवांतु तागेले द्वंद्व मनस्थितीक लागून विचारचांतु येताचि. तरियी अर्जुनाक प्रश्ने विचारचें अवश्यक आसता, कारण प्रश्ने विचारिल्यान समाधान प्राप्त जावचें अपेक्षित आसता. देकून अर्जुनान विचारिले प्रश्ने तितलेचि महत्वाचे आशाचि जितले कृष्णाले उत्तर महत्वाचे आसताले. देकून अर्जुन विचारता किं परमात्माले सगुण, साकार रूपाचि उपासना करनुं जे तरेन भक्ताक साक्षात्कार प्राप्त जाता ते तरेन परमात्माले निर्गुण, निराकार रूपाचि उपासना करनुं साधक साक्षात्कार प्राप्त करू शकतावे – ''एवं सततयुक्ता ये भक्तास्त्वां पर्युपासते ।ये चाप्यक्षरमव्यक्तं तेषां के योगवित्तमा: ॥''.

सर्व साधारण मनुष्यंक अध्यात्माचो प्रवास भायर स्रिश्टींतु खंड–खंडातु व्याकृत जालिले वस्तु–पदार्थ, प्रतिमा, विग्रहांक माध्यम करनुं पुजा–पाठ, नाम स्मरण–मनन, भजन–संकीर्तन करनुं परब्रह्म, परमात्मालें निजधाम प्राप्त करता. ''नामसंकीर्तन साधन पैं सोपें, जळतिल पापें जन्मांतरिचीं । न लागे सायास जावें वनांतरा, सुखें येतो घरा नारायण । ठायीच बैसोनि कर ऐकचित्त, आवडी अनंत आळवावा । रामकृष्ण विठ्ठल केशवा, मंत्र हा जपावा सर्वकाळ । याहूनि आणिक नाहीं पैं साधन, वाहतसे आण विठोबाचि । तुका म्हणें सोपें आहे सर्वाहुनीं, शहाणा तो धणि घेतो येथें ॥'' (तुकाराम). संत महाजन म्हणताचि – ''तुमचें नामसंकीर्तन । हेंचि माझें संध्या–स्नान ॥ तुमचे पायांचे सापेक्ष । हाचि माझा कालक्षेप ॥ तुमचें पायांचे चंदन । हेंचि माझें अनुष्ठान ॥ तुमचें पायापाशीं निद्रा । हेचि माझी प्रेममुद्रा ॥ एका जनार्दनाकार । ब्रह्मरूप हा संसार ॥'' (एकनाथ).

वास्तविक अर्जुनान विचारिलो हो प्रश्नो एक नदीन सागराक खंयचे दिशेन व्हांवल्यारि ती सागराकचि मेळतालि म्हण्णुं विचारले तरेन आसा. कारण नदि खंयचे दिशेन प्रवास करत आसल्यारियी ती सागराकचि मेळनुं समावेश जातालि, हें निश्चित आसता.कृष्ण सांगता किं तागेले अभिप्रायान जे जन परमात्माले प्रति मन केंद्रित करनुं नित्य निरंतर उपासना करताचि ते श्रद्धायुक्त जावनुं परमात्मांतु एक जाताचि – ''मय्यावेश्य यतो मनो ये मां नितयुक्ता उपासते । श्रद्धया परयोपेतास्ते मे युक्ततमा मता: ॥''. जे जन परमात्मा आपण्याले भितर अंत:करणांतु निराकार रूपान आसा म्हण्णुं मान्य करनुं श्रद्धेन आनि एकाग्रतेन नित्य निरंतर अनन्य भावनेन चिंतन, मनन निदिध्यासन करनुं परमात्माले अनंत, व्यापक, विराट, विशाल, शांत महासागरांतु गंगा नदीचो प्रवाह सागरांतु प्रवेश केलिले तरेन प्रवेश करताचि – ''ये त्वक्षरमनिर्देश्यामव्यक्तं पर्युपासते । सर्वत्रगमचिंत्यं च कूटस्थमचलं धृवम् ॥ संनियम्येंद्रियग्रामं सर्वत्र समबुद्धय: । ते प्राप्नुवंति मामेव सर्वभूतहिते रता: ॥''.

''ये त्वक्षरमनिर्देश्यामव्यक्तं पर्युपासते ।'' म्हळयार जे परामात्मा अक्षर, अव्यक्त निराकार म्हण्णुं कल्पना करनुं उपासना करताचि ते साधक सुद्धं. कारण उपासना म्हळयार श्री शंकराचार्यांनि स्पश्टीकरण केलिले तरेन जी उपासना अविरत व्हावचे तेलाचे धारे तरेन प्रवाहित आसता – ''उपासनं नाम यथाशास्त्रं उपास्यस्य अर्थस्य विषयीकरणेन सामीप्य उपगम्यं तैलधारावत् समानप्रत्ययप्रवाहेण दीर्घकालं यत् आसनं तत् उपासनं आचक्षते ॥'' ति उपासना सकार किंवा निराकार आसूं ती परमात्माक पावता.

परमात्मा आसा किं ना, आसल्यार तो कितलो दूर आसा हें महत्वाचें न्हंय तर आपूण खंय आनि परमात्मा पासून कितलो दूर आस हें समजून घेवचें आवश्यक आसता. कारण परमात्मा पासून कितलो दूर आस हें समजल्यार खंयचे मार्गान, खंयचे दिशेन गेल्यार परमात्मालो साक्षात्कार जातालो हें समजतालें. समजून, आपूण आनि परमात्मा मदलें अंतर पोळोवनुं प्रवासाचो मार्ग, दिशा समजल्यार गति निर्धारित करचें कठीण जावचें ना. जर स्वीकारिलो मार्ग, दिशा गुण स्वभावाक अनुरूप ना तर मार्गा वयर प्रवास केल्यारियी लक्ष प्राप्त जावचें ना.

परमात्माले विविध सगुण रूप आकारान प्रभावित जालिले साधकांक परमात्मालें अक्षर, अव्यय, निराकार रूपमैश्वर्याचो साक्षात्कार जालिलो ऋशि मुनींनी सांकेतिक उदहरणांनि शास्त्रांतु निरूपण केलिले वर्णन समजचें कठीण आसता – ''क्लेशोऽधिकतरस्तेषामव्यक्तासक्तचेतसाम् । अव्यक्ता हि गतिर्दु:खं देहवद्भिरवाप्यते ॥''. उपनिशद सांगता किं ज्ञान–विज्ञानाचो मार्ग सुरीचे धारे तरेन तीक्ष्ण, प्रवास करचाक त्रासदायक अनि चलचाक कठीण आसा म्हण्णु पूर्वकाळाचे ऋशींनि कठ उपनिषदांतु – ''क्षूरस्य धारा निशिता दुरत्यया दुर्गम्पथस्तकवयो वदंति ।'' म्हण्णुं सांगिल्लें आसा. सर्व साधारण जो मनुष्य पापा पासून अलिप्त ना, जे कोणांलें मन स्थिर, एकाग्र, संतुलित ना ताका परमात्मालि साधना साध्य जायना – ''नाविरतो दुश्चरितानाशांतो नासमाहित: । नाशांतमनसो वापि प्रज्ञानेनैमाप्नुयात् ॥''. परमात्माले विशय आयकलिल्यान, शब्दान उलयिल्यान, बुद्धीन स्पश्टीकरण दिलिल्यान समजना किंवा शोधिल्यान तो मेळना – ''नायमात्मा प्रवचनेन लभ्यो न मेधया न बहूना श्रुतेन ।''. निराकार परमात्मा प्रमाण रूपान प्राप्त जायना, पुण प्रसाद रूपान अनुभवचे साधय आसता – ''यमेवैष वृणुते तेन लभ्यस्तस्यैष आत्मा विवृणुते तनूं स्वाम् ॥''.

''योगीका जो पथ । चलते हैं पार्थ । दु:ख ही है साथ । उनके सदा ॥ अजी! लोहेके ही चने । पडते हैं नित खाने । पेट भरने या मरने । क्या कहे: इसे ? ॥ बाहुसे तरना सागर । पैरोंसे गगन विहार । ऐसा ही है पांडूकुमार । बात जो य ॥ बीच रण रंगमें जाकर । तनपे घाव न झेलकर । सूर्य मंडलको भेदकर । आना कैसे ॥ पंगूकि बराबरी वायूसे । शरिरकी निर्गुणमें वैसे । प्रवेश है समान रूपसे । जान तू पांडव ॥ फ़िर भी करके साहस । लिपटलेते हैं आकाश । जिससे पायेंगे वे क्लेष । निश्चित् जान ॥ किंतु इस और पार्थ । न जाने क्या है व्यथा । तभी है ये भक्ति पंथ । ते है जन ॥'' (ज्ञानेश्वर).

देकून सामान्य जनांक परमात्मा कशें आनि खंय आसता, कोणांक आनि खंयचे प्रसंगांतु दिसता हें सांगून, समजून समजना. तरियी जेन्नां स्रिश्टींतले संकेत, प्रतीकं, प्रतिमा साधन म्हण्णुं वापरचांतु येताचि तेन्नां परमात्मालो शोध घेवचे साधकांक परमात्मा कळत न कळत प्राप्त जाता. पुण निराकार परमात्मालें असीम दर्शन घेवचें आसल्यार साधकांले संकुचित मन असीम, व्यापक करचाक जाय. साधना तेन्नांचि सफ़ल जाता जेन्नां मनुष्य साकार परमात्माले रूप–आकारांचे पेलतडेन वचू शकतालो. कारण परमात्मालें निराकार रूपमैश्वर्य पळयतल्यांक परमात्माले सगुण रूप आकाराचें सीमित द्वंद्व रूपं प्रभावित करनांचि. जो पर्यंत मनुष्य रूप–आकाराचें द्वंद्व पळयत आसता तो पर्यंत ताका निर्द्वंद्व, अद्वैतरूपी परमात्मा दिसचो ना. संवेदनशील ज्ञानी मनुष्य परमात्मा खंय आसा, कशें दिसता म्हण्णुं संकेतिक, प्रतिकात्मक वर्णनांओ आधार घेवनुं सर्व दिशेन पसरिले स्रिश्टींतले प्रत्येक वस्तु–पदार्थांतु परमात्मालें अक्षर, अव्यय अस्तित्व पळयता. देकून ज्ञानी मनुष्याक असले प्रश्ने, संशय, संदेह, शंका–कुशंका मनांतु उठनांचि, उठले तर तो निराश जाय नासताना आपण्याले अंत:करणाचे बंद द्वार उघड दवरनुं आपण्यालो द्रिश्टिकोण व्यापक करनुं ते अनंत असीम परमात्माक निराकार रूपांतु पळयता.

''बहुत शास्त्रीं बहुत भेद । मतमतांस विरोध । ऐसा करितां विवाद । बहुत गेले ॥ सहस्रांमध्ये कोणि येक । पाहे देवाचा देवाचा विवेक । परि त्या देवाचें कौतुक । ठाईं न पडे ॥ ठाईं न पडे कैसे म्हणता । तेथेंचि लागली अहंता । देव राहिला परता । अहंतागुणें ॥'' (दासबोध).

कृष्ण म्हणता किं जो मनुष्य श्रद्धेन आपण्याले सर्व कर्म आनि कर्मफ़ल परमात्माक अनन्य भावनेन समर्पण करनुं उपासना करता ताका परमात्मा निश्चित रूपान अभियुक्त भक्त करनुं जन्म मरणाचे संसार चक्रांतल्यान मुक्त करता – ''ये तु सर्वाणि कर्माणि मयि संन्यस्य मत्परा: । अनन्येनैव योगेन मां ध्यायंत उपासते ॥ तेषामहं समुद्धर्त मृत्युसंसारसागरात् । भवामि न चिरत्पार्थ मय्यावेशितचेतसाम् ॥''. संसारांतु भौतिक पातळीवयर मनुष्य सीमित मनाक लागून जें पळयता तांका तक्षण आकार प्राप्त करनुं दिता. देकून सीमित द्वंद्व रूपान पळयतल्याक निराकार परमात्मालें असीम अद्वैत रूप आत्मसात् जावचें ना. साधनेंतलो प्रश्नो परमात्मा साकार किंवा निराकार आसता म्हण्णुं न्हंय तर साधकाले क्षमते वयर अवलंबून आसता. कारण लक्ष्य एक आशिल्यान खंयचे मार्गान प्रवास करचे, खंयचे कार्यक्षेत्र आनि कार्याचि पद्धत – साकार किं निराकार, हे प्रत्येकाले गुण स्वभावा वयर निर्भर आसता. जर मनुष्यालि समज आनि द्रिश्टि चुकीचे दिशेन आसल्यार ताका साकार किंवा आनि निराकार हे दोन्नियी मार्ग चूकीचे आसताले. भक्ति मार्ग चलचे साधकाक जे गुण स्वभाव अपेक्षित आसताचि ते ज्ञान मार्ग चलचे साधकाक धोखादायक ठरतालें.

परमात्मालो शोध जितलो सरळ दिसता तितलोचि तो कठीण आनि त्रासदायक आसता. पुण ती कठिणायी परमात्माक लागून न्हंय तर साधकालि क्षमता उणें पडत आशिल्यान आसता. जर मनुष्यालो शोध चुकीचे दिशेन आसल्यार तागेलो शोध सफ़ल जावचो ना. परमात्मालो साक्षात्कार कितलो कठीण आसता तें साधक परमात्मा पासून कितलो दूर गेलिलो आसा हाज्जे वयर अवलंबून आसता. जर परमात्माले दिशेन तोंड करनुं उभो नासल्यार परमात्मा दिशेन वच्चो मार्ग सुलभ, सरळ, सुरळित आसचो ना. मार्ग सुलभ, सरळ, सुरळित आसल्यार परमात्माले परम पद मनुष्याक बशिल्लें थंय, श्रम घेतले शिवाय, कांयि केलें शिवाय, कांयी धरलें शिवाय, सोडलें शिवाय, बदलले, परिवर्तन, रूपांतरित जाले शिवाय अनायास प्राप्त जातालो म्हण्णुं न्हंय. परमात्मालें अस्तित्व मनुष्याले कल्पने वयर आधारित ना, देकून कल्पनेचे अधारा वयर शोधल्यार परमात्मा मेळचो ना.

ध्यानांतु आसचाक जाय किं इंद्रियं भायरचें जग पोळोवचें साधन आसा, भितरलें जग पोळोवचें साधन न्हंय. भायर जें आसता ते परमात्माले प्रतिबिंब आसता. भायर संसार आसता, भितर परमात्मा आसता. जीवनांतु क्रांति हाडचि आसल्यार मनुष्याक भायर स्रिश्टींतु पसरिले परमात्माले असंख्य प्रतिबिंब भितर आशिल्लें बिंब जाणचाक साधन, माध्यम जावू शकताचि अंतिम लक्ष्य न्हंय. देकून जें लक्ष्य जावचें आसता तें सकारात्मक द्रिश्टीन सक्रिय करचें पडता. परमात्मालो अर्थ परमशांति, परम समाधान, परम आनंद म्हण्णुं आसता.

देकून कृष्ण म्हणता – ''मैयेव मन आधत्स्व मयि बुद्धीं निवेशय । निवसिश्यसि मय्येव अत ऊर्ध्व न संशय: ॥ अथ चित्तं समाधातुं न शक्नोषि मयि स्थिरम् । अभ्यासयोगेन ततो मामिच्छाप्तुं धनंजय ॥ अभ्यासेऽप्यसमार्थोऽसि मत्कर्मपरमो भव । मदर्थमपि कर्माणि कुर्वन् सिद्धिमवाप्यसि ॥''. 'मय्यावेशितचेतसाम्' म्हळयार मनांतले सर्व इच्छा, आकांक्षा, कामना, अहंकार परमात्माक जाणीव पूर्वक, स्वेच्छेन समर्पण करनुं ताका शरण वच्चें. 'अभ्यासेन' म्हळ्यार परत परत प्रयत्न करचें, 'वैराग्येण' म्हळयार अनासक्त भावनेन. कृष्णाले ''कर्मण्येव अधिकारास्ते मा फ़लेषु कदाचन । मा कर्मफ़लहेतुर्भूर्मा ते संगोऽस्त्वकर्मणि ॥'' हे वचनाक लागून मनुष्यान आपण्याले अंत:करण उघड दवरनुं इंद्रियांचो उपयोग संसारांतु शरीर सुखा खातिर न्हंय तर मनांतलि इच्छा, आकांक्षा, कामना, अहंकार त्याग करनुं मन आनि बुद्धि परमात्मांतु स्थिर करचाक जाय. परिणामत: स्थिर जालिले अंत:करणांतु परमात्माले अस्तित्वाचो अनुभव जातालो. जशें जशें भितर आशिल्लो परमात्मा प्रत्यक्ष अनुभवचांतु येतालो तशें तशें मनुष्याक आपण्याले परमानंदातु समवेश करनुं घेतालो.

कृष्ण जाणता किं जीवनाचो प्रवास करताना सामान्य मनुष्य अहंकाराक लागून आपूण म्हळयार शरीर म्हण्णुं समजत आशिल्यान तागेले मनांतु शरीर आपण्याक सर्व काळ अनुकूल आसचें ना, काळांतरान पुण निश्चित नाश जातालें म्हण्णुं एक चिंतेचें कारण जावनुं आसता. पुण जेन्नां मनांतु इच्छा, आशा, आकांक्षा जागी

जाता तेन्नां ते प्राप्त जावचे खातिर आपण्यालें शरीर नाश जाव न्हंय, जें आपण्यालें लागीं ना तें प्राप्त जावचाक जाय म्हण्णुं मनांतु हुरहुर आसता. पुण परमात्मान जें प्राप्त करनुं दिलिलें आसा तांतूत तृप्त जावनुं मनांतल्यान इच्छा, आशा, आकांक्षा समूळ नाश करना.

कृष्ण जाणता किं जो मनुष्य मनांतलि इच्छा, आकांक्षा, कामना, अहंकार त्याग करनुं मन आनि बुद्धि परमात्मांतु स्थिर करचाक सक्षम जायना ताणें इच्छा, आकांक्षा, कामनेक लागून प्राप्त जालिलें फ़ल परमात्माक समर्पण करचाक जाय – ''अथैतदप्यशक्तोऽसि कर्तुं मद्योगमाश्रित: । सर्वकर्मफ़लत्यागं कुरु यतात्मवान् ॥''. सामान्य मनुष्याले द्रिश्टीन अध्यात्माचि यात्रा भौतिक पातळीवयरचे इच्छा, आशा, आकांक्षेक लागून कठीण आसता. पुणा कृष्ण सांगता किं अध्यात्माचो प्रवास क्लिश्ट आसना किंवा सुलभ आसना. तो कठीण दिसता कारण मनुष्य इंद्रियांचे माध्यमांतल्यान तो प्रवास पूर्ण करचाक प्रयत्न करत आसता. सामान्य मनुष्य एक रूप, आकार, एक प्रतिमा माध्यम म्हण्णुं वापरनुं, एक विशिश्ट देवळांतु वचून पूजा–पाठ, अर्चना–याचना, भजन–नामस्मरण करनुं परमात्मालो साक्षात्कार जावचाक प्रयत्न करता. जो मनुष्य शास्त्रांचो अभ्यास करनुं आपूण म्हळयार शरीर न्हंय, आपूण सनातन अस्तित्वाचो आत्मरूपान एक अंश आसा, शरीर नाश जाल्यारियी आपण्याले आत्माक अंत ना म्हण्णुं जाणता तो अध्यात्म पातळीवयर चिंतन, मनन, ध्यान धारण करनुं परमात्मालें सनातन अस्तित्व भितर अंत:करणांतु साक्षात्कार जावचाक प्रयत्न करता.

पुण परमात्माक स्थळ–काळाचे बंधन ना. जे तरेन परमात्मा भायर आसता तेचि तरेन तो भितर प्रत्येकाले अंत:करणांतु प्रस्थापित जावनुं आसता. देकून भक्ति मार्ग किंवा ज्ञान मार्ग – खंयचेयी मार्गान प्रवास केल्यारियी परमात्मा प्राप्त जाता. एक निश्चित मार्ग न्हंय तर अनेक विकल्प, अनेक साकार रूप–आकार प्राप्त करनुं दिलिले आसाचि. भौतिक ज्ञानाचे दडपणा सकयल दाबिले साधकांक – 'एवं बहुविधा यज्ञा वितता ब्रह्मणो मुखे । कर्मजान्विद्धि तान् सर्वानेवं ज्ञात्वा विमोक्ष्यसे ॥'' म्हण्णुं सांगून परमात्माक प्राप्त करचाक अनेक, वेग–वेगळे विकल्प, वेग–वेगळे मार्ग सूचयल्याचि केवल तोचि मार्ग ताका श्रेयस्कर आसतालो जो तागेले गुण स्वभावाक अनुरूप आसतालो. जर एक मार्ग कठीण आनि त्रासदायक दिसल्यारि श्रद्धावान् साधकाक वेगळो सरळ, सुलभ आनि सुखाचो मार्ग आसता. परमात्मा अनाक्रमक आसता, भक्तान एक पावूल उचल्यार परमात्मा धा पावलं उचलनुं लागीं येता. परमात्मा दूर ना, किंबहुना तो मनुष्याले श्वासा पेक्षा लागीं आसा. मनुष्यालें मन चंचल आसता. देकून पुजा–पाठ, अर्चना–प्रार्थना कोणालि करचि, जप–तप कशें करचें, समर्पण म्हळयार कसलें, कशें करचें हें ताका खबर, समजलें नासल्यार भिवचें आवश्यक ना. जीवन परमात्मान मनुष्याक दिलिलो एक महत्वाचो अवसर आनि संसार तांतूतलो एक अविभाज्य घटक आसा. तेन्नां परमात्मा भितर अंकुर रूपान आशिल्ल्यान ताजी पान, फ़ूल, फ़ल अवश्य भायर दिसतालिं. देकून साधकाक परमात्मालि प्रतीक्षा करचि पडना.

परमात्मालो साक्षात्कार करनुं घेवचो प्रवास भौतिक पातळीवयर एक रूप, आकार, प्रतिमेचि पूजा–पठ, अर्चाना–याचना, भजन–नामस्मरण करनुं अधिदैविक पातळीवयर चिंतन, मनन, ध्यान धारण निश्चित जावनुं अध्यात्मिक पातळीवयर पूर्ण करचो आसता. कृष्ण सांगता किं परमात्माक प्राप्त करचाक उपलब्ध आशिल्ले अनेक मार्गांतु इंद्रियांचे मुखांतर प्राप्त जावचे ज्ञाना पेक्षा इंद्रियांचे पेलतडेन वचून ध्यान–धारणा अध्यात्म विज्ञान संपादन करचें श्रेष्ठ आसता. ध्यान–धारणा करनुं अध्यात्म विज्ञान प्राप्त करचे पेक्षां मनांतल्यान कर्म फ़ल त्याग करचे सर्वांतु श्रेयस्कर आनि श्रेष्ठ आसून नित्य निरंतर परम शांति प्राप्त करनुं दिता – ''श्रेयो हि ज्ञानसभ्याअसाज्ज्ञानाध्यानं विशिष्यते । ध्यानात्कर्मफ़लत्यागाच्छांतिरनंतरम् ॥''.

जेन्नां मनुष्याक परमात्मालें व्यापक अस्तित्व व्याकृत जालिले स्रिश्टींतले कण–कणांतु, धर्तरेंतु, व्हांवचे नदींतु, वन–वनस्पतींतु, झाडांतु, फ़ुलांतु, फ़लांतु, आकाशांतु उडचे पक्षींतु, जमीनेवयर चलचे जीव–जंतूत–जन–जनावरांतु, बसताना, उठताना, खाताना, पिताना, निदताना, जागो आसताना नस नसांतल्यान सर्वत्र भितर–भायर जाणवतालें. तेन्नां तागेलें सर्व पूजा–पठ, अर्चाना–याचना,चिंतन, मनन, ध्यान–धारणा परमत्माले

साक्षात्कारान पूर्ण जातालें. अव्याकृत परमात्मा स्रिश्टिरूपान पूर्ण तरेन व्याकृत जालिल्यान स्रिश्टींतले प्रत्येक वस्तु पदार्थांतु तो आसा आनि दुसरे वस्तु पदार्थांतु तो ना म्हणचें चूक करचो ना. तेन्नां परमात्मालें दर्शन दोळे झांकले किंवा उघड दवरले तांतूत फ़रक पडचो ना.

संत तुकारामानि भक्ताले द्रिश्टीन जर परमात्माक – ''जिकडे पाहे तिकडे उभा, अवघा गगनाचा गाभा । दोळा बैसले बैसले, रूप राहोनि सांचिलें । न वर्जिता दाही दिशा, जिकडे पाहे तिकडे सरिसा । तुका म्हणें समपदीं, उभा दिठीचियें आधिं ॥'' पळयलें तर संत ज्ञानेश्वरांले ज्ञान द्रिश्टीन तो – ''जैसे अस्ताचवलके समीप । गये रवि–बिंबके आतप । रविके पीछे अपने आप । चलता वैसे ॥ वर्षाऋतुकी जो सरिता । चडती जाती पांडुसुता । वैसी अनित्यनूतन आस्था । दीखे भजनमें ॥ मिलन स्थलमें जैसे सागर गंगा–प्रवाह होता अनिवार । वैसा आता है अनिवार पूर । प्रेम भावका ॥ वैसे जो सर्वेद्रिय सहित । नित रहता मुझमें रत । स्मरता रहता दिन–रात । न जानकर भी ॥ म्हण्णुं दिस्ल्यार तांतूत मूळ भेद आसचो ना.

किंबहुना भक्त आनि ज्ञानि मनुष्य एक मेकां विरुद्ध न्हंय तर एकमेकांक पूरक आसताले. परमात्मालें साकार स्वरूपाचि पूजा करनुं साक्षात्कर प्राप्त केलिलो भक्त श्रेष्ठ किं परमात्मालें निराकार स्वरूपाचें चिंतन, मनन, ध्यान धारणा करनुं साक्षात्कर प्राप्त केलिलो ज्ञानि श्रेष्ठ हो केन्नांयि न सुटचो प्रश्नो जावनुं आसा. भक्त परमात्माले साकार रूपाचि उपासना करनुं संसाराचे भौतिक कारागृहांतल्यान मुक्त जावचाक धडपडता. ज्ञानि परमात्माले निराकार रूपाचि उपासना करनुं इंद्रियान प्रभावित जालिलें मन, बुद्धि आनि अहंकार द्वंद्व विचारांचे भौतिक कारागृहांतल्यान मुक्त जावचाक धडपडता. पूजन, भजन पूर्ण जावनुं अंतःकरणांतु अनाहत नाद प्रतिध्वनित जावनुं जीवात्मा आनि परमात्मा, भक्त आनि भगवंता मदलो अवकाश कमीं जावनुं परमात्माले परम सान्निध्य प्राप्त केलें. मनन, चिंतन, ध्यान, धारणा पूर्ण जावनुं अंतःकरणांतु ज्!ज्ञानाचो प्रकाश पसरनुं जीवात्मा आनि परमात्मा, भक्त आनि भगवंता मदलो अवकाश कमीं जावनुं परमात्माले परम श्रेष्ठ ज्योतींतु बक्तालो अंशरूपान आशिल्लें किरण समावेश जालें. भक्त आसूं, ज्ञानी आसूं दोगांलेयो विभक्त जीवन श्रद्धामय, शुद्ध, पवित्र, शांत आनि संतुलित जालिल्यान कर्म, कर्मफ़लाचे पाप, पुण्य विसर्जन जावनुं परमात्माले अविभक्त ज्ञाना–विज्ञानाचे पूर्णत्वांतु एकरूप जातालें.

सामानय मनुष्य समजता किं जीवन जितलें तो जाणता तितलेंचि आसता पुण ज्ञानी मनुष्य जानता किं जीवन जितलें तो जाणता तितलेंचि ना तर जीवान परमात्माले तरेन व्यापक तागेले जीवनाक सुरवात आनि अंत आसचो ना. देकून उपनिषदांतु सांगिल्ले तरेन – ''वस्तु सर्वाणि भूतानि आत्मन्येवानुपश्यति । सर्व भूतेषु चात्मानं ततो न विजुगुप्सते ॥ यस्मिन्सर्वाणि भूतानि आत्मैभूद्विजनतः । तर को मोहः कः शोक एकत्वमनुपश्यत ॥'' तो कोणांलोयी द्वेश करना. भक्त ज्ञानी जाता आनि ज्ञानी मनुष्य भक्त जाता. हे तरेन अंतर्मुख जावनुं अनुभवचे कलेक अध्यात्म म्हणताचि. जेन्नां मनुष्य अध्यात्म साधनेचि परिपक्वता जाणता तेन्नां ईश उपनिशदांतु सांगिल्ले तरेन – ''ओं पूर्णमदः ओं पूर्णमिदं पूर्णात्पूर्णमुदच्यते । पूर्णस्य पूर्णमादाय पूर्णमेवावशिष्यते ॥'' पूर्ण रूपान अव्याकृत आसचो परमात्मा स्रिश्टींतु अंशरूपान व्याकृत जाल्यारियी अव्याकृत पूर्ण रूपान आसता हें जाणवतालें. चांगदेव सांगता – ''आकार पूजितां निराकार जालें । शून्यीं बुडाले बाईयांनो ॥ शून्यांचा अंकुर शून्यचि फ़ललें । व्योमाकार जालें मन तेथें ॥ तेथें फ़ळ ना डाल जाति ना कुळ । वटेश्वर चांगा जाला निर्मूळ ॥''.

कृष्ण सुद्धां तेचि सांगता – ''अद्वेश्टा सर्वभूतानां मैत्रः करुणा एव च । निर्ममो निरहंकारः समदुःख क्षमी ॥ संतुश्टः सततम् योगी यतात्मा धृडनिश्चयः । मय्यर्पितमनोबुद्धिर्यो मद्भक्तः स मे प्रियः ॥''. जो मनुष्य अन्य जनां खातीर संवेदनशील आसता, अन्य जनां पासून संवेदनशील जायत आसता, जो निर्मन, निरहंकारि, सुख–दुःखांतु सम–समान आसता, मेळिल्यान अति हर्ष जायना, मेळिले नासल्यार दुःखि जायान, सतत सुखी, सतत योगनिष्ठ, आत्मरत, धृड निस्चित आसता, मन आनि बुद्धि प्रमात्माक समर्पण करता तो सभक्त परमात्माक प्रिय

आसता. अद्वेश्टा म्हळयार द्वेश ना करचो मनुष्य न्हंय तर मनांतु आनि गुण स्वभावांतु द्वेशभाव नाशिल्लो मनुष्य आसता. सर्व साधारण मनुष्य स्वत: खातिर सुख–समाधना मेळना म्हण्णुं चिंतित आसता. पुण जो मनुष्य सुख मेळ्ळें ना म्हण्णुं दु:खि आसता, इतलेंचि न्हंय तर दुसर्यांक सुख मेळ्ळें म्हण्णुं दु:खि जाता आनि दु:ख मेळ्ळें म्हण्णुं सुखि जाता तो मनुश्य केन्नांयी अद्वेश्टा आसचो ना. जीवन पूर्ण जगचाक मनुष्यालें मन शांत आसचाक जाय.

जे मनुष्याले मनांतु द्वेश आसता ते मनुष्यालें मन अशांत आसता. जे मनुष्यालें मन अशांत आसता ते मन परमात्माले वास्तव्याक योग्य आसचें ना. जे मनुष्याले मनांतु द्वेश आसना तें मन सात्विक भावनेक लागून सर्व भूतजातिं विषय सख्य, मैत्रि आनि करुणा दाखयत परमात्माले वास्तव्याक अनुरूप आसता. जो मनुष्य मनांतु कसलोयी अहंकार, स्वार्थ, आसक्ति, लोभ नासताना, कसलेंयी कारण नासताना, सहज अकारण सुख, समाधान अनुभवता तें सुख परमात्माले अक्षय परमानांदांतु परिवर्तन जालिलो साधक परमात्माक प्रिय जाता. सर्वां प्रति प्रेम करत सर्वां पासून प्रतिरूपान प्रेम प्राप्त करत अपूर्ण आशिल्ले भौतिक जीवन धार्मिक जीवनांतु पूर्ण करता.

जो मनुष्य मनांतु कसलोयी उद्वेग नासताना किंवा कसलेयी उद्वेगान प्रभावित जाय हर्ष अमर्ष, भय नासताना, कसलेयि कामना, इच्छा, आशा, आकांक्ष्का, आसक्ति नासताना, भितर–भायर शुद्ध, दक्ष, उदासीन आसता तो मनुष्य परमात्माक प्रिय आसता – ''यस्मान्नोद्विजते लोको लोकान्नोद्विजते च य: । हर्षामर्षभयोद्वेगै य: स च मे प्रिय: ॥''. तेचि तरेन जो मनुष्य कसल्याचियी इच्छा, आशा, अपेक्षा करत नासताना, तन, मनान शुद्ध आसचाक दक्ष आसता, सर्व कर्मा पासून उदासीन आसून त्याग करता तो मनुष्य परमात्माक प्रिय आसता – ''अनपेक्ष: शुचिर्दक्ष: उदासीनो गतव्यय: । सर्वारंभपरित्यागो यो मद्भक्त: स मे प्रिय: ॥''.

मनुष्य सर्व साधारण प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाक लागून आपण्याक जें मेळिलें आसा तें आपण्याले कर्तुत्वाक लागून प्राप्त जालिलें आसा म्हण्णुं अहंकारान सुख–समाधान अनुभवता. जर आपण्याक मेळिलें ना तर ते असफ़ल्स्तेचें दायित्व स्वत: घेना तर तें आपण्याले नशीबाक, दैवाक दीट जे कोणांक तें मेळिलें आसा तांगेले विशय द्वेशभाव धरता. कृष्ण समत्वाचो उपासक इतलोचि न्हंय उपदेशक आनि प्रचारक आसता. सामान्य मनुष्य सुख किंवा दु:ख तीव्र आसता तेन्नां तागेलें मन विचलित जाता. सम हे शब्दाचो अर्थ जें मेळचि उत्सुकता आसता तें मेळिल्यान ताका हर्ष जायना, तें मेळिले नाशिल्यान दु:ख ना, अन्य जनां विशय द्वेश ना किंवा जे मनुष्यालें मन विचलित जायना तो मनुष्य सम भावनेचो आसून तो परमात्माक प्रिय आसता – ''यो न हृष्यति न द्वेश्टि अन शोचति न कांक्षति । शभाशुभाआपरित्यागी भक्तिमान्य: स मे प्रिय: ॥ ''. जो मनुष्य शत्रु किंवा मित्र, माना–अपमान, :उन–थंड, सुख–दु:ख सम मानानुं सर्वांपासून अनासक्त आसता, निंदा–स्तुति सम–समान समजून जें मेळता तांतूत सुख–समाधान अनुभवता, एक स्थानाचि ममत्व आसनासताना बुद्धि स्थिर, धर्मवान्, श्रद्धावान् आसून निष्काम भावनेन धर्माचें सेवन करता, तो मनुष्य परमात्माक प्रिय आसता.

सगुण परमात्मालि उपासना करनुं किंवा निराकार परमात्मालि ज्ञान साधना करनुं जे साधक जीवनांतले सर्व स्वार्थ, ममत्व आनि द्वेशभाव उपटूण काडनुं निर्मन, निरहंकार, शून्यावस्थेंतु रूपांतरित जाताचि ते सुख–दु:खांतु, लाभ–हानींतु, भय–उद्वेगांतु मन विचलित जावचाक दीनांचि. किंबहुना जीवनांतु जें कांय असक्तीन भरिलें आसता तें सर्व त्याग करताचि, जर त्याग करताना परमात्मा विशय आसचि आसक्ति त्याग करचें पडल्यार तें सुद्धां त्याग करताचि. जीवनांतु कसलेंयी निपून आसना, जे निपून आसा अशें भास जायत आसता तें दूर ना, लागींचि आसा. परमात्माक प्रवेश करचाक जीवनांतल्यान अहंकार दूर केल्यार जीवनांतु परमात्माक प्रवेश करचाक कांयि स्वीकारचें किंवा अत्याग करचें अशें आसचें ना. बंद आशिल्लें द्वार उघडतालें किं थंय परमात्मा वाट पळयत उभो राबिल्लो दिसून येतालो. देकून तो म्हणता हे सर्वांतु ते परमात्माक जास्त प्रिय आसताअचि जे परमात्मालें हें अमृतमय वचन श्रद्धेन, शरण, समर्पित जावनुं पालन करतचि – ''ये तु धर्म्यामृतमिदं यथोक्तं

पर्युपासते । श्रद्दधाना मत्परमा भक्तस्तेऽतीव मे प्रियाः ॥''. महाभारतांतु असलो मनुष्यालो विशय – ''येन केनाचिदच्छन्नो येन केनाचिदाशितः । यन्न क्वचनशायी स्यात्तं देवा ब्रह्मणं विदुः ॥'' उद्गार काडत म्हळ्यां.

जेन्नां कृष्ण ''स मे प्रियः'', 'मद्भक्तः स मे प्रियः' म्हण्णुं म्हणता तेन्ना तो सामान्य मनुष्या तरेन ताका थोडे जन प्रिय आसताचि अनि वेगळे थोडे अप्रिय आसताचि म्हण्णुं तांगेले प्रति तो भेदभाव किंवा पक्षपात करता म्हण्णुं न्हंय. परमात्माक प्रिय जावनुं आसचें म्हळयार धर्मान घालनुं दिलिलो सनातन ऋतु नियम पालन करचें आसता. परमात्माक साधकालो विशय आसचि प्रीति म्हळयार परमात्मालो विशय ज्ञान मेळिल्यान ताका देवता कार्यांतु सहभाग जावचाक स्वतःचि ओळख करनुं घेवचाक उपलब्ध करनुं दिवचें क्षण आसताचि. परमात्माक साधका विशय आसचि प्रीति म्हळयार देवता कार्यांतु ताका सहभाग जावचाक संधि प्राप्त करनुं दिलिल्यान ताणें सहभाग जावचाक सर्व जीवन समर्पित करनुं व्यक्त करचि कृतज्ञता, आभार आनि सद्बुद्धी. कारण कृष्णान पयलेंचि स्पश्ट केलिलें आसा – ''समोऽहं सर्व भूतानां न मे द्वेशोऽस्ति न प्रिय : ।''. परमात्मा निःपक्ष जावनुं सर्वा वयर आपण्यालि कृपा द्रिश्टि दवरत आसा – ''यथा प्रकाशमत्येकः कृत्स्नंलोकमिमं रविः । क्षेत्रं क्षेत्री तथा कृत्स्नं प्रकाशयति भारत ॥''. देकून कृष्णान म्हणचें इतलेंचि आसता किं जे मनुष्य प्राप्त जालिलो सीमित स्वातंत्र्याक लागून प्रस्थापित केलिलो धर्माचो ऋतु यम–नियम आपण्यालो गुण स्वभावाक अनुरूप कर्म यज्ञाकर्म म्हण्णुं जीवन अध्यात्मिक विकास आनि अभिवृद्धी खातिर करताचि ते परमात्माक समाधान दिताचि. पुण जे मनुष्य इंद्रियासक्त जावनुं गुण स्वभावाचे विपरीत प्रस्थापित केलिलो ऋतु यम–नियम, धर्म उल्लंघन करनुं कर्म करत आनि प्राप्त जालिलो स्वातंत्र्य उपयोजनेंतु हाडताचि ते परमात्मालो द्वेशा करत नासल्यारियी, परमात्माक असमाधान दीवनुं अप्रिय आसताचि.

कृष्ण सांगता किं जो दुराचारी मनुष्य शास्त्र संमत ऋतु यम–नियम, धर्म उल्लंघन करनुं कर्म करता तो ज्ञाना–विज्ञान प्राप्त करनुं आअपण्यालो कर्म गुण स्वभाव आनि शास्त्र संमत ऋतु यम–नियम, धर्माचो अनुरूप कर्म करनुं तो ताका परत प्रिय जावू शकता – ''अपि चेत्सुदुराचारो भजते मामन्यभाक् । साधुरेव स मंतव्यः सम्यग्व्यवस्थितो हि सः ॥''. देकून जे तरेन प्रिय आसचे मनुष्यालो विकास आनि अभिवृद्धि खातिर परमात्मा मार्गदर्शन दीवनुं योग्य दिशा दाखयता ते तरेन अप्रिय आशिल्ले मनुष्यालो विकास आनि अभिवृद्धि खातिर परमात्मा मार्गदर्शन दीवनुं योग्य दिशा दाखयत जाका लागूअ ते सात्विक जावचाक प्रवृत्त जातालो.

०००००



# *अध्याय तेरावो*
# *केत्र–क्षेत्रज्ञ योग*

साधारणतः प्रचारांतु आशिल्ले भगवद् गीतेचे संकलनांतु ७०० श्लोक आसताचि. पुण श्री मध्वाचार्यांनि जें गीते वयर भाष्य बरयलें तेन्नां तेराव्या अध्यायांतु एक अधीक श्लोक – ''प्रकृतिं पुरुषं चैव क्षेत्रं क्षेत्रज्ञमेव च । एतद्वेदितुमिच्छामि ज्ञानं ज्ञेयं च केशव ॥'' म्हण्णुं अर्जुनाले तोंडांतु दिसता. ताका लागून माध्व संप्रदायेंतु प्रचलित आशिल्ले भगवद् गीतेंतु श्लोकांचि संख्यां ७०१ आसता. समावेश केलिले हे श्लोकांतले अर्जुनाले प्रश्न्याक – ''इदं शरीरं कौंतेय क्षेत्रमित्याभिधीयते । एतद्यो वेत्ति तं प्राहुः क्षेत्रज्ञ इति तद्विधः ॥ क्षेत्रज्ञं चापि मां विद्धि सर्वक्षेत्रेषु भारत । क्षेत्रक्षेत्रज्ञयोर्ज्ञानं यत् ज्ञानं मतं मम ॥'' हें कृष्णाले स्पश्टीकरण योग्य आसा हें लक्ष्यांतु येतालें.

उपनिषदांतले – ''तद्धेदं तर्ह्यव्याकृतमासीत्, तन्नामरूपाभ्यामेव व्याक्रीयत, असौनामायमिदंरूप इति ।'' वचनाक अनुसरून कृष्ण सारांशान सांगता किं जें स्रिश्टींतु रूप–आकारान व्याकृत जालिलें आसता तें क्षेत्र आनि जें अव्याकृत आसता तें क्षेत्रज्ञ आसता. आनि ''एष प्रविश्ट आ नखाग्रेभ्यः, यथा क्षुरःक्षुरधानेऽवहितः स्यात्, विश्वंभरो वा विश्वंभरकुलये ।'' म्हण्णुं सांगिल्ले तरेन निर्माण जालिले शरीर म्हळयार क्षेत्र आनि निर्माण केलिले सिश्टींतले कणकणांतु अण्शरूपान व्यापून आशिल्लो आव्याकृत परमात्मा क्षेत्रज्ञ आसता म्हण्णुं हे अध्यायाचि सुरवात करता. जें ज्ञान क्षेत्र–क्षेत्रज्ञ, शरीर–आत्मा, पदार्थ–परमात्मा, संसार–मोक्ष संबंदित जें आसता तें विज्ञान, विशेष ज्ञान आसता – ''इदं शरीरं कौंतेयक्षेत्रमित्याभिहीयते । एतद्यो वेत्ति तं प्राहुः क्षेत्रज्ञ इति तद्विधः ॥ क्षेत्रज्~ चापि मं विद्धि सर्व क्षेत्रेशु भारत । क्षेत्रक्षेत्रज्ञयो यत्तज्ञानं मतं मम ॥''.

स्रिश्टि स्वरूपान व्याकृत जालिलें क्षेत्र, मन, वाक्, प्राण आनि ज्ञान–विज्ञान पयलें प्रथम शुद्ध, पवित्र, सात्विक आसून राजसिक आनि तामसिक गुण स्वभाव, प्रवृत्ति आनि अज्ञानाक लागून बदलत, परिवर्तन, रूपांतरित जाताचि. देकून मनुष्याक फ़ुःख भोगचाक नरकाक वच्चें आवश्यक ना, सुख अनुभवचाक स्वर्गाक वच्चें आवश्यक ना. मनुष्य स्वर्गाचे सुख किंवा नरकाचे दुःख हे इहलोकांतूचि अनुभवू शकता. दुःख भोगचाक दुःख येवचाक जाय अशें ना. मरण यातना भोगचाक मरचाक जाय अशें ना. कारण जे तरेन दुःख येवचें पयले दुःखाचो तांडव मनुष्य अनुभवत आसता ते तरेन मरण येवचे पयलेंचि मनुष्य हजार पटीन मरत आसता.

आकारान प्राप्त जावचे सुख–दुःख बदलचाक मनुष्य भायरचे आकार बदलचो प्रयत्न करता. दुःखचें निवारण आनि सुखाचे आगमन जावचे खातिर आपूण वेगळो परमात्मा वेगळो म्हण्णुं समजून परमात्मालि पूजा–पाठ, अर्चना–प्रार्थना, जप–तप करता. पुण भितर भूत काळांतल्यान मनांतु इंद्रियांक लागून संग्रहित जालिले विचार, आचार, संस्काराचे शृंखलांतल्यान मुक्त जावचाक प्रयत्न करना. पुण्य कर्म आपण्यालें कर्तुत्व म्हणता; पाप कर्मांचे दायित्व दैव, नशीबाक दिता.

रूप–आकाराचे क्षेत्र इंद्रियांक उपलब्ध आसता. शरीर स्थूल रूपान दृश्य आशिल्यान दिसता आनि परमात्मा सूक्ष्म रूपान आशिल्यान दीसना.देकून स्थूल शरीरान प्रभावित जालिलो मनुष्य तर्कबुद्धीन इंद्रियांचे

मुखांतर शरीराचे भायर ल्हानांतलो ल्हान, सूक्ष्मांतले सूक्ष्म, स्थूलांतलो स्थूल रूपान व्याकृत जालिले आकार सुद्धां विभाजन करनुं तांतु परमात्माक शोधचाक प्रयत्न करता. देकून ते मनुष्यालो शोध व्याकृत आकारांतु शोध घेवनुं पूर्ण जायना. किंबहुना इंद्रियांक लागून जें एक मनुष्य सुंदर, आकर्शक, शुभ, पुण्य कर्म म्हण्णुं मानता तें सताचि दुसरे मनुष्याक तेचि तरेन दिसता, दीसचाक जाय म्हण्णुं ना, तें कुरूप, विकर्षक, अशुभ, पाप कर्म आसू शकता. देकून जो पर्यंत अध्यात्म विज्ञान प्राप्त जावनुं मनुष्याले मनांतल्यान इंद्रियांचे मुखांतर भूत काळांतल्यान इंद्रियांक लागून तर्कबुद्धीन संग्रहित जालिले विचार, आचार, संस्कार विसर्जन जायनांचि तो पर्यंत ताका इंद्रियांचे पेलत्डेन अध्यात्मिक पातळीवयर प्राप्त जावचें शुद्ध, पवित्र, व्यापक, विशाल, विराट ज्ञान–विज्ञान भितर अंतःकरणांतु सूक्ष्मांतु सूक्ष्म शून्यांतु शून्य रूपान आशिल्लो निर्द्वंद्व, अद्वितीय परमात्मालो परमानंद अनुभवनुं शोध पूर्ण जाता.

श्री रामकृष्ण परमहंस दुर्गामातेलें मोहक रूपमैश्वर्य अधिदैविक पातळीवयर नियाळत आसताले. तोतापुरि योगीक दिसलें किं दुर्गामातेलें मोहक रूपमैश्वर्याक लागून निर्माण जालिले अडथळ्याक लागून परमहंसालि साधना अपूर्ण, स्थंभित जालिलि आसा. देकून जेन्नां परमहंस दुर्गामातेलें मोहक रूपमैश्वर्यांतु समाधिस्त आसताना तो योगी एक तीक्ष्ण फ़ातर घेवनुं तागेले कपाळ फ़ोडता. तागेले कल्पनेन कुंडलिनि शक्ति जी कपाळावयर स्थिर जावनुं परमहंसाक दुर्गामातेलें साकार रूपमैश्वर्यांतु अडखळून आशिल्लि मुक्त जावनुं ब्रह्मरंध्रांतु पावतालि आनि परमहंसांक देवीलें निराकार रूपाचो साक्षात्कार जाअतालो.

पुण तोतापुरि योगि जाणनाशिल्लो किं अव्याकृत आनि व्याकृत, निराकार आनि आकारांतलें द्वंद्व जो तो पळयत तो परमहंसांले व्यापक, विशाल द्रिश्टीक गौण्य आशिल्लो. किंबहुना देवीलो साकार किंवा निराकार साक्षात्कार जायत आसा हो प्रश्नो तोतापुरि योगीक पडिल्लो, परमहंसांक न्हंय. कारण अव्याकृत आनि व्याकृत, निराकार आनि आकार, क्षेत्रज्ञ–क्षेत्र मदलो संबंध जो तोतापुरीक अदृश्य, अज्ञात आशिल्लो तो परमहंसांक दृश्य, ज्ञात आशिल्लो. श्री रामकृष्ण परमहंस जन्म जे तरेन इतिहासांतलो एक प्रसंग जावनुं आसा ते तरेन कृष्णालो जन्म इतिहासांतलो एक प्रसंग जावनुं आसा. तागेले असामान्य व्यक्तिमत्वाक इतिहासांतले अनेक संवेदशील क्रांतदर्शी ऋशी साक्ष आसाचि. कृष्णाले प्रभावी व्यक्तिमत्वाक लागून स्रिश्टींतलि दुश्ट प्रवृत्ती नाश जावनुं दुर्मेद जालिलो अव्ययोग परत प्रस्थापित जालो. ताका लागून परमात्मालें द्वापर युगांतले देवताकार्य पूर्ण जावनुं कृष्णाले व्यक्तिमत्व असामान्य, असाधारण कर्तुत्वाक लागून साध्य जालिल्यान साक्षात् परमात्मा कृष्णालें प्राकृत मनुष्यरूप घेवनुं धर्तरेवयर अवतरला म्हण्णुं संसारांतु शतकान् शतक मान्य जालें.

अव्यय योगाचें ज्ञान–विज्ञानाचें निरूपण केवल मनुष्य रूपांतल्यान जालिलें ना तर अन्य रूपांतल्यान सुद्धां जालिलें आसा. सत्यकामाक बैल, अग्नि, हंस आनि उडचि पक्षीले रूपान गुरु प्राप्त जाले. दत्तात्रेयाक पृथ्वी, वायु, आकाश, जल, अग्नि, चंद्र, कपोत पक्षि, अजगर, सागर, पतंग, म्होंवा मूस, हस्ति, हरिण, मासळी, वेश्या, चेरडुं, कुमारि, सर्प, कोळी, भवरो अशें आनेक गुरु आशिल्ले. रमण महर्शींक तांगेलो आत्मा गुरु रूपान प्रगट जालो. गुरून शब्दान प्रवचन करचें आवश्यक ना. आश्रमांतु राबून उपदेश घेवचाक जाय अशें ना. मौन बसून अशब्दांतल्यान दक्षिणमूर्तीन शिश्यांक ज्ञान–विज्ञान दीवनुं सर्व संशय नाश जाले – ''गुरोऽस्तु मौनं व्याख्यानं शिश्यास्तु छिन्नसंशयाः ॥''. जनक रायाक शब्दांतल्यान राजवाड्यांतु प्राप्त जालो तर अर्जुनाक कुरुक्षेत्राचे रणांगण वयर गीतोपदेश एक क्षणांतु प्रप्त जालो.

विश्वांतले जीव–जनावरांक कदाचित् सूर्याले प्रकाशाचि अवश्यकता समजचि ना, पुण सूर्य विश्वांतु इंद्रिय आनि विषयांचे आकर्षणान प्रभावान अज्ञानाचे अंधःकारांतु सुस्त निदिले जीव–जनावरांलि गरज जाणता. देकून जीव–जनावरांलें अज्ञान दूर करचाक आपण्यालो प्रकाशाचि किरणं घेवनुं दर दिवस चुकत नासताना उदयाक येता. सामान्य मनुष्यांक गुरूलि गरज कदाचित् जाणचि ना, पुण जिज्ञासू शिष्यालि गरज गुरु जाणता. शिष्यालि जिज्ञासा, तितीक्षा तळमळ तितलि तीव्र आसचि ना जितलि तीव्र शिष्यालें सामर्थ्य, क्षमता जाणचि

तळमळ गुरूक आसतालि. किंबहुना शिष्यान प्रश्ने विचारचें पयलें ते प्रश्न्यांचे समाधान गुरूलें लागिं आशिल्यान तो सुरवातीक शिष्यालें प्रश्न्यांचे समाधान आनि सर्व संशयांचे निरसन भौतिक पातळीवयर शास्त्रांतले ज्ञान दीवनुं ज्ञान–विज्ञानाचे मार्ग दाखोवनुं परमात्मालें साक्षात्काराचे बंद द्वार उघड करता.

कृष्णाक ज्ञान–विज्ञान दीवनुं कांयी सिद्ध करचें नाशिल्लें तरियी पयलें मित्र–मित्रां मदें संवाद रूपान संदर्भानुसार निरूपण केलिलें ज्ञान अध्यात्मिक पतळीवयर शिष्य आनि गुरु, जीवात्मा आनि परमात्मालें अध्यात्मा पातळीवयलो उपदेशपर परिसंवादांतु सरळ न्हंय तर नदीचो प्रवाहा तरेन अनेक पातळीवयर चलत आसता. हे विलक्षण आरोहण आनि अवतरणाक कार्यशील जावचें क्षेत्र, तें क्षेत्राचो नित्य निरंतर बदल, परिवर्तन, रूपांतर जावचे आकार, स्रोत आनि विकार, क्षेत्रज्ञ रूपान आसचो परमात्मा, तागेलो प्रभाव आतां जें विश्लेषण करचो आसा तें आयकुवचाक कृष्ण अर्जुनाक सांगत आसा – ''तत्क्षेत्रं यच्च यादृक्च यद्विकारि यतश्च यत् । स च यो यत्प्रभावश्च तत्समासेन मे शृणु ॥''. जें कृष्ण संक्षेपान सांगचो आसा तें पयलेंचि ऋशींनि विस्तारान वेदांतु सांगून उपनिषदांतु आनि ब्रह्मसूत्रादि दर्शन साहित्यांतु लौकिक, संकेत, चिन्ह, उदाहरण वापरनुं सामान्य जनांक उपलब्ध करनुं दिलिलें आसा – ''ऋशिभिर्बहुधा गीतं छंदोभिर्विविधैः पृथक् । ब्रह्मसूत्रपदैश्चैव हेतुमद्भिर्विनिश्चितैः ॥''. ध्यानांतु आसचाक जाय किं जो पर्यंत वेद शास्त्रांतु अधिदैविक पातळीवयर दिलिले दृश्टांत साधन, माध्यम म्हण्णुं स्वीकारचांतु येनांचि तो पर्यंत परमात्मालें अध्यात्मिक सनातन, निराकार, अव्यय, अक्षर, शाश्वत अस्तित्व आत्मासात जावचें ना. ''वेद शास्त्र आणि पुराणें । महावाक्यांचि विवरणें । तनुचतुष्टयनिदर्शनें । कैसी ती ऐकवी ॥ ऐसे हें अवधेचि ऐकावें । परंतु सार शोधून घ्यावें । असार तें जाणोनिं त्यागावें । ये नांव श्रवण भक्ति ॥'' (दासभोद).

अर्जुनालि मनस्थिति पूर्ण तरेन संवेदनशील, द्रिश्टि सतेज जालिलि आसून आतां ताका अनुभवाचि अवश्यकता आसा हें कृष्ण आतां जाणता. परमात्मा जर लक्ष्य आसा तर परमात्मालें साकार प्रतिमेचि पूजा–पाठ करनुं द्रिश्टि स्थिर जाल्यार निराकार परमात्मालो साक्शात्कार जावचो ना. लक्ष्यांतु आसचाक जाय किं कृष्ण अर्जुनालें खातिर एक प्रतिभावान् गुरु आसल्यारियी तो उलयताना खंयियी उपदेश करना, आदेश दीना, आज्ञा करना, गुरुमंत्र दीना तर मित्रालें तरेन उलयत समजायत आसता. कारण अध्यात्म साधनेंतु अखेरचो निर्णय घेवचें स्वातंत्र्य शिष्याक आसता, गुरूक न्हंय. गुरूलें स्वातंत्र्य मार्ग दाखयिल्यान सोंपत आशिल्यान अर्जुनालें प्रश्ने तितलेचि महत्वाचें आसताचि जितलें कृष्णान दिवचो स्पश्टीकरण महत्वाचें आसता. कारण शिष्याक खंय वच्चें आसा तेंचि निशचित नासल्यार मार्ग दाखोवनुं उपयोग जावचो ना. आतां कृष्ण अर्जुनालो गुरु उरलो ना आनि अर्जुन शिष्य उरलो ना.

पुण संसारांतु सामान्यतः गुरून मार्ग दाखयलें नंतर शिष्यालें लक्ष्य ते मार्गा वयर आसना, लक्ष्य ते मार्गा वरय चलताना पाळचे यम–नियमां वयर आसना तर गुरूलें प्रभावाक लागून लक्ष्य गुरूलें आनि ताणे वापरिलें शब्दां वयर आसता. देकून अनेक शिष्यांक गुरु मेळता पुण परमात्मा मेळना. कृष्णान संवाद रूपान दिलिलो संदेश अर्जुनाक सीमित जावनुं उरलो ना. पुण अनेक जनांक वर्सोन वर्स, शतमानान शतमान एक सनातन, शाश्वत संदेश जालिलो आसून परमात्मालो साक्षात्कार जावचाक गीताशास्त्र एक महत्वाचें माध्यम जालिलें आसा. देकून प्रत्येक साधकान अर्जुनालि भूमीका स्वीकारनुं अर्जुनान विचारलें प्रश्न्यांक कृष्णान दिलिलें स्पश्टीकरण व्यक्ति, समाज, काळाक अनुसरून आसाचि म्हण्णुं मान्य आनि कृष्ण लक्ष्य न्हंय तर माध्यम म्हण्णुं स्वीकारनुं तागेलो संदेश आत्मासात् करचाक जाय.

कारण स्रिश्टींतु आकार–विकारांक लागून दिसचें द्वैत कितलें विकृत आनि भयंकर अशें दिसल्यारियी भूतकाळाचे जन, प्रदेश आनि काळाक लागून दिलिलो स्पश्टीकरन कितलें असंभव आनि अवास्तव दिसल्यारियी वर्तमान काळाचे जनांक ते अध्यात्माचे मार्गावयर दिलिलें दृश्टांत म्हण्णुं अनुसरून समाजचाक जाय. स्रिश्टींतु परमात्मालें व्यतिरिक्त कांयी वेगळें नाशिल्यान विश्वांतु जें दिसता तें एकमेकांक विपरीत अशें दिसत

आसल्यारिइयी परमात्मालें सकारात्मक रूपान व्याकृत जालिलें किंवा नकारात्मक रूपान व्याकृत जालिलें रूप म्हण्णुं देवांलें अस्तित्व सकारात्मक म्हण्णुं आनि असुरांलें अस्तित्व नकारात्मक म्हण्णुं स्वीकारचें आसता. शास्त्रांतले ज्ञान–विज्ञानाक लागून देव सूर्याले तरेन तेजःपुंज आसताचि; इंद्रियांचे प्रभावाक लागून असुर अज्ञानाचे अंधःकारांतु आसून ते दोग्गंयी प्रजापतीलिं संतान म्हण्णुं भारतीय धर्म परंपरेंतु मानचांतु आयल्या.देवांलें सकारात्मक अस्तित्व मान्य आसता म्हण्णुं असुरांलें नकारात्मक अस्तित्व उपेक्षित करचें वास्तवाचे विपरीत आसता.

मनुष्यालें सकारात्मक किंवा नकारात्मक गुण स्वभावाक लागून आसून जीव आपत्य आशल्यारियी तागेलें अवस्थेक परमात्मा जावाबदार आसना. कारण जें तरेन अग्नि योग्य सकारात्मक भावनेन वापरल्यार ऊर्ध्व दीशेन व्हांवत जीवांक सृजन करता तेचि तरेन अयोग्य, नकारात्मक भावनेन वपरल्यार जीवांक अधोगतीक व्हरनुं विसर्जन करता. स्रिस्टींतु कसलेयि घटना मानाचे इच्छेक लागून अपेक्षित करचें किंवा उपेक्षस करचें स्रिश्टीचे नियमांक लागून अनुचित आसतालें. भौतिक पातळिवयलें अज्ञान सुद्धां अध्यात्मिक पातळीवयर ज्ञान–विज्ञान संपादन करचाक साधन, माध्यम म्हण्णुं वापरल्यारियी भौतिक ज्ञान केन्नांयी अंतिम लक्ष्य म्हण्णुं स्वीकारचांतु जावचें ना. जो मनुष्य भौतिक पातळिवयलें द्वंद्व ज्ञानाचे पेलतडेन वता तो अध्यात्मिक पातळिवयलें विज्ञान लक्ष्य करता तो सुख आयिल्यान फ़ुरफ़ुरचो ना, दुःख आयल्यार हताश जावचो ना. देकून तोचि परमात्मालो निर्द्वंद्व परमानंद अनुभवाक सक्षम अधिकारी पुरुष जावनुं सुखान मन बेभान किंवा दुःखान बेचैन जावचें ना.

संसार म्हळयार सुख–दुःखाचे मिश्रण. जें तरेन सुखान आनंदाचे क्षण अनुभवता ते तरेन दुःखाअचे क्षण अनुभवताना असामाधान भोगचें पडता. पुण सामान्य मनुष्य जाणना किं जेन्नां तो सुख अनुभवता तेन्नां तागेलें शरीर इंद्रियांका लागून सुख अनुभवत सर्व दिशेन सुख पसरिलें पळयता. जेन्नां तो दुःख अनुभवता तेन्नां तागेलें शरीर इंद्रियांका लागून कश्ट अनुभवता आनि सर्व दिशेन दुःख पसरिलें पळयता. जें वस्तु–पदार्थ–घटना आयज तागेलें इंद्रियांक लागून दुःख दिताअचि तेचि नंतर सुखाचे क्षण दिवू शकता. जें वस्तु–पदार्थ–घटना आयज तागेलें इंद्रियांक लागून सुख दिताचि, तेचि नंतर दुःखाचे क्षण दिवू शकता. सामान्य मनुष्य जीवनांतु सुखाचि अपेक्षा करता दुःखाचि न्हंय. पुन जीवनांतु सर्व सुखचि सुख आसल्यार दुःखाचो तापत्रय समज नाशील्लो. जीवनांतु सर्व दुःखचि दुःख आसल्यार सुखाचो अनुभव मेळनाशील्लो. मनुष्यालें मनांतलें अहंकार आनि इंद्रियांचे प्रभावाक लागून श्रेय–प्रेय, शुद्ध–अशुद्ध, पवित्र–अपवित्र, बरें–वायट, सुख–दुःख, क्षेत्र–क्षेत्रज्ञ, शरीर–आत्मा, जीवात्मा–परमात्मा, संसार आनि मोक्ष असलें एकमेकांक विपरीत अनुभव आसताचि तो पर्यंत तागेलें मन सुख दुःखाचे द्वंद्व तडफ़डत आसता. जें क्षण मनुष्य हें द्वंद्व अस्तिव जाणून, समजून, स्वीकारनुं द्वंद्वाचे पेलतडेन वता तेन्नां द्वंद्वाचे पेलतडेन आशिल्लो एकमेव निर्द्वंद्व क्षेत्रज्ञालो साक्षात्कार जाता.

निर्माण करतालो आनि निर्माण जातालो एक सम–समान स्तरा वयर आसनांचि, आसू शकनांचि. मडकि तयार करचो कुंभार तयार जालिलि मडकि हे वेग–वेगळे लक्शणाचे आसताचि. कुंभार मडकीचें वर्णन करू शकता, मडकि कुंभाराचें वर्णन करू शकना. वास्तवांतु जो पर्यंत मनुष्यालि द्रिश्टि स्रिश्टिरूपान व्याकृत जालिले आकारां वयर केंद्रित आसता तो पर्यंत ते आकारान निपून आशिल्लो अव्याकृत निराकार परमात्मा ताका दिसचो ना. पुण कृष्ण परमात्मालें अव्याकृत पातळी वयल्यान उलयत आशिल्यान तो व्याकृत जावचि प्रक्रिया आनि व्याकृत अस्तित्वाचे वर्णन भौतिक पातळीवयर करू शकता.

कृष्ण आतां अर्जुनाक – ''महाभूतान्यहंकारो बुद्धिरव्यक्तमेव च । इंद्रियाणी दशैकं च पंच चेंद्रियगोचराः ॥'' म्हण्णुं अव्याकृत परमात्मान पृथिवी, जल, अग्नि, वायु, आकाश हे पांच स्थूल महातत्वं, बुद्धि, अहंकार, प्रकृति हीं तीन सूक्ष्म तत्वं, पांच ज्ञानेंद्रिय आनि पांच कर्मेंद्रिय, मन आनि शब्द, स्पर्श, रूप, रस, आनि गंध हे इंद्रियांचे पांच विषय रूपान व्याकृत जावचि प्रक्रिया विस्तारान सांगता.

ज्ञानेश्वर परमात्मालॆ हॆ प्रक्रियॆ विसय विशय उलयतान म्हणताचि – ''क्षेत्रज्ञ क्या समझाया । अपना रूप तुझॆ दिखाया । तथा क्षेत्र भी सब समझाया । संपूर्ण रूपसॆ ॥ क्षेत्र–क्षेत्रज्ञका यह मिलन । करता भूतमात्रकॊ उत्पन्न । जैसॆ सलिल अनिल मिलन । रचतॆ तरंग ॥ अथवा जब दिनकरकॆ किरण । करतॆ ऊसर भूमिका आलिंगन । होता है मृगजल पूर–सा दर्शन । धनंजय ॥ ... वैसॆ चराचर संपूर्ण । जीव जगतका निर्माण । करता उभय मिलन । क्षेत्र–क्षेत्रज्ञका ॥ इसीलियॆ हॆ अर्जुन । क्षेत्र–क्षेत्रज्ञसॆ भिना । नहीं है कोयि जान । साकार वस्तु ॥''. ''जगृतिमें जैसॆ स्वप्न । आंखोमॆ रहता लीन । या अमासकॆ दिन । चंद्र हॊता गुप्त ॥ बालकोमें जैसॆ अर्जुन । छिपा रहता है यौवन । या कलिमॆ हॊता प्रसन्न । सुगंध गुप्त ॥ अथवा जैसॆ इंधनमें । अग्नि हॊता सुप्तावस्थामें । वैसॆ हॊता है प्रकृतिमें । गुप्त–रूपसॆ ॥ .. ऐसे पंचोमें मिल कर । देहका आकार लेकर । नचाता तव अहंकार । दश–दिशामें ॥ ... 'रजनीका होते ही अस्त । नभमें होते तारा लुप्त । रुकती होनेपे सूर्यास्त । भूतमात्रकी क्रिया ॥ देह पात पर अर्जुन । देह होती उपाधी लीन । कृतकर्ममें अनुदिन । डुबी रहती ॥ बीज रूपमें यह सतत । रहत है वृक्ष समस्त । अथवा पटत्व बन सूत । रहता जैसॆ ॥''.

फृथिवी, जल, अग्नि, वायु, आकाश हॆ पांच प्राथमिक स्थूल महातत्वांचे निरूपण करताना मनाचें विश्लेष्न – ''आकाशकी नीलिमासा । मृगजल–तरंग सा । व्यर्थका मिथ्याभास सा । रहता है वह ॥ .. व्यर्थ है उसका नाम मन । जो मात्र कल्पना मूर्तिमान । उसकॆ संगसॆ मिला जान । वस्तूको जीव भाव ॥ .. इच्छाको वह बढाता । आशाकॊ वह चढाता । रक्षण नित करता । भयका जो ॥ द्वैतका जॊ उगम स्थान । अविद्या करॆ बलवान । इंद्रियोंक करॆ पतन । विषयोंमें ॥ संकल्पोंसॆ सृश्टि रचता । विकल्पोंसॆ उसकॊ तोडता । मनोरथोंका ढेर चडा था । उतराता वह ॥''.

क्षेत्राचॆ विकार इच्छा, द्वेश, सुख, दु:ख, आनि स्थूल शरीर, चेतना, धृति रूपान आसाअत्चि – ''इच्छा द्वेशः सुखं दुःखं संघातश्चेतना धृतिः । एतत्क्षेत्रं समासेन सविकारमुदाहृस्यम् ॥''. चेतना म्हळयार ''अब है असंग और साक्षीभूत । जिसकी सत्ता देहमें सतत । नाम उसका यहां पांडुसुत । चेतना है ॥ नखसॆ जॊ शिख पर्यंत । तन पॆ सर्वत्र जागृत । नहि होता परिवर्तित । अवस्थात्रयमें .. राजा परिवार नहीं जानता । आज्ञासॆ पर–चक्र दुर हॊता । पूर्ण–चंद्र देख उमडा आता । महासागर । या चुंबकका सन्निधान । करता लोहेकॊ चेतन । सूर्य–संगसॆ होतॆ जन । कार्यप्रवृत्त ॥ मुख लगायॆ बिन । पिल्लोंका है पोषण । करति है अर्जुन । कूर्मी जैसॆ ॥ उसी भांतिसॆ अर्जुन । आत्म–संगसे है तन । प्राप्त करता जीवन । जड है जो ॥ इसकॊ है चेतन । कहतॆ हैं अर्जुन ॥ ... अर्जुन वह व्याप्त है ऐसॆ । अवकाशकॊ आकाश जैसॆ । वस्त्र तूपसि है तंतु जैसॆ । हॊतॆ है व्याप्त ॥ उदकमें जैसॆ रसत्व । दीपमें जैसॆ प्रकशर्व । वैसॆ व्याप्त है यह तत्व । सदा सर्वत्र ॥''. चैतन्याचॆ वर्णन – ''अब है असंग और साक्षी भूत । जिसकी सत्ता देहमें सतत । नाम उसका यहां पांडुसुत । चेतना है ॥ मखसॆ जो शिख पर्यंत । तनपॆ सर्वत्र जागृत । नहीं होता परिवर्तित । अवस्थात्रयमें ॥ मन बुद्धि आदि प्रफ़ुल्लित । और प्रवृत्ति वनमें वसंत । खिला रहता जिससे पार्थ । सदैव ही ॥ ... या चुंबकका सन्निधान । करता लोहेको चेतन । सूर्य संगसॆ होतॆ जन । कार्य प्रवृत्त ॥ मुख लगायॆ बिन । पिल्लोंका है पोषण । करती है अर्जुन । कूर्मी जैसॆ ॥ उसी भांतिसॆ अर्जुन । आत्मसंगसॆ है तन । प्राप्त करता जीवन । जड है जो ॥'' म्हण्णुं करताचि.

कृष्ण म्हणता किं जॊ मनुष्य मनांतु आपूण श्रेष्ठ आसा म्हण्णुं अभिमानि ना, प्राणि विशय अहिंसा, क्षमा, तन–मनाचि सरलता, श्रद्धा, भक्तीन गुरुसेवा, इंद्रियां वयर नियंत्रण आनि भितर–भायर संयम, अंत:करणाचि स्थिरता, शुचिता, शुद्धि, जन्म, रोग, मरणाचे विशय समद्रिश्टी, इहलोक–परलोकांतु सुख प्राप्ति विशय अनासक्ति आसता ताका आत्मज्ञानाचॊ अधिकार प्राप्त आसता – ''अमानित्वमदंभित्वमहिंस्दा क्षांतिरार्जवम् । आचार्योपासनं शौचं स्थैर्यमात्मविनिग्रहः ॥ इंद्रियियार्थेषु वैराग्यमनमहंकार एव च । जन्ममृत्युजराव्याधिदु:खदोषानुदर्शनम् ॥ आसक्तिरनभिष्वंगः पुत्रदारगृहादिषु । नित्यं च समचित्तत्वमिष्टानिष्टोपपत्तिषु ॥''.

मनुष्याक भौतिक पातळिवयर इंद्रियांक लागून रूप–आकार जे तरेन उपलब्ध जालिले आसताचि ते तरेन आसताचि किंवा आसचाक जाय म्हण्णुं ना. पुण मनुष्याक अध्यात्मिक परमात्माले समग्र, व्यापक ज्ञान–विज्ञानाक लागून जें इंद्रियांचे पेलतडेन वचून उपलब्ध जालिले आशिल्यान तें जे तरेन आसता ते तरेन ते रूप–आकारांचे दर्शन जाता. अन्यथा सर्व अपरा ज्ञानान सक्षम आसल्यारियी परमात्माक प्राप्त करचाक आवश्यक आशिल्लें आनि इंद्रियांचे पेलतडेन वचून अनुभवचें व्यापक आनि सखोल अध्यात्मिक विज्ञान ताका उपलब्ध जावचें ना.

जें ज्ञान मनुष्याक एकांतांतु मन एकाग्रचित्त करनुं अनन्य एकात्म भावनेन परमात्माले नाम श्रवण–स्मरण, चिंतन–मनन, ध्यान–धारणा करनुं प्राप्त करता तेंचि अध्यत्माचें विज्ञान आसता, शिवाय अन्य खंयचेयी म्हंय म्हण्णुं कृष्ण सांगता – ''मयि चानन्ययोगेन भक्तिरव्यभिचारिणी । विविक्तदेशसेवित्वनरतीर्जनसंसदि ॥ अध्यात्मज्ञाननित्यत्वं तत्वज्ञानार्थदर्शनम् । एतज्ज्ञानमिति प्रोक्तमज्ञानं यदतोऽन्यथा ॥''. 'अनन्ययोगेन' म्हळयार श्री शंकराचार्यांनि व्याख्या – ''न अन्यो भगवतो वासुदेवात् परः अस्ति, अतः स एव नः गतिः इत्येव निश्चिताव्यभिरारिणी अबुद्धि अनन्ययोगः ॥'' म्हण्णुं केलिलि आसा. वासुदेव म्हळयार जो सर्व जीवांतु निवास करनुं आसा – ''वासयति भूतानि स्वस्मिन् इति वासुः सचासौ देवश्च दीव्यते इति स्वप्रकाशः स वासिदेवः इत्यर्थः ।''. देकून विश्वांतु एकमेव पुरुष आसून सर्व जीव, परमात्मा बरोबर स्त्री भावनेन आकर्शित जायत आशिल्यान गोकुळांतले गौळणि आपण्याले लग्न जावचें पयलें आपण्यालो घोव कृष्णा तरेन आसचाक जाय म्हण्णुं कात्यायनी देवीलि पूजा करताले – ''कात्यायिनी महामाये महायोगिनी अधीश्वरी । नंदगोपसुतं देवी पतीं मे कुरु ते नमः ॥''. 'भक्तिरव्यभिचारणी' म्हळयार नारद भक्ति सूत्रांतु 'यथा व्रजगोपिकानाम्' म्हण्णु सांगिल्ले तरेन शुद्ध, पवित्र आसा. हे तरेचि आत्मीयता नासल्यार तें प्रेम 'तद्विहीनं जारमिव' आसता अशें सांगचांतु येता. संसारांतु विशयांचे अनैतिक आकर्षणान प्रभावित जाय नासताना वासुदेव सोडल्यार अन्य कोणिंयी देव पूजचाक योग्य नांचि म्हण्णुं माननुं आपण्यालि बुद्धी सम, एकाग्र जावनुं करचि भक्ति आसता – ''स एव वासुदेवोऽसौ साक्षात् पुरुष उच्यते । स्त्रीप्रायं इतरात् सर्वं जगद् ब्रह्मपुरस्सरम् ॥''. जे तरेन वासुदेव आनि विष्णु म्हळयार जो सर्व विश्व व्यापून आसा तो आसा ते तरेन कृष्ण म्हळयार जो सर्वांक आकर्शक आसता. जेन्नां भक्ति, अनन्य, अव्यभिचारी जाता तेन्नां माध्यम म्हण्णुं वापरचांतु आयिले सर्व वस्तु–पदार्थ परमात्माखातिर समर्पित जाताचि आनि जे तरेन पिकिले पान झाडावयल्यान अनायास गळनुं पडता ते तरेन वस्तु–पदार्थाचे आकर्षण मनांतल्यान गळनुं पडत आनि अंतःकरणांतु परमात्मालें व्यतिरिक्त अन्य कोणिंयी आसचे नांचि.

परमात्माले अस्तित्व सर्व भूतजातींतु दाखोवचें अध्यात्म ज्ञान परम पवित्र ज्ञान जावनुं आसा. ताजे विपरीत सर्व अन्य अज्ञान आसा. केवल शास्त्र श्रवण केलिल्यान परमात्मालो ओंकाराचो अनाहत नाद आयकुवचाक येना, अध्ययन केलिल्यान दर्शन जायना, जें जाणिल्यान आनि केलिल्यान शेष कांयी जाणचें, करचें उरचें ना. कारण शेष कांयी उरलें तर प्राप्य जालिलें ज्ञान पूर्ण ज्ञान म्हणचांतु येवचें ना. पुण जें जाणचें योग्य आनि आवश्यक आसता तें जाणचाक जाय. जें करचें योग्य आसता, तें करचाक जाय. जे प्रश्ने विचारचाक जाय जे विचारिल्यान जें जाणचाक जाय, तें जाणनुं योग्य ज्ञान प्राप्त जातालें. जें जाणचें योग्य आसता तें जाणचाक जाय, जें जाणिल्यान आनि केलिल्यान शेष कांयी जाणचें, करचें उरचें ना. जें जाणिल्यान, केलिल्यान मनुष्याक अमृतत्व आनि परम आनंद प्राप्त जाता तें तो कृष्ण आतां विस्तारान सांगता – ''ज्ञेयं यत्तत्पवक्षामि यज्ज्ञात्वाऽमृतमश्नुते । अनादिमत्परं ब्रह्म न सत्तन्नासदुच्यते ॥''.

सामान्यतः संसारांतु तापत्रयान पिडीत जालिलो मनुष्य तापत्रयान मुक्त जावचो उपाय शोधता, तापत्रयांचे कारण न्हंय. संसरांतले तापत्रयांचे कारण एकचि आसता : मनुष्य देव जावचाक धडपडता पुण इंद्रियांचे प्रभावान आसक्त जायत जीवनांतलो प्रत्येक क्षण इंद्रियांचो उपभोग घेत पशु तरेन जीवन जगत आशिल्यान देव जावचे आसुं, ताका मनुष्या तरेन जीवन जगचें सुद्धां साध्य जायना. कारण इंद्रियांक शरण वचून असुर जावचें

सहज साध्य जाता, पुण इंद्रियां वयर नियंत्रण दवरनुं देव जावचें कठीण आसता. पुण जो मनुष्य जीवन क्षणभंगुर म्हण्णुं जाणून संसारांतले तापत्रयाचें कारण शोधता ते ममुष्यालि विवेक बुद्धि जागि जालिल्यान तो ज्ञानी मनुष्य आसता. किंबहुना संसारांतलि अस्थिरता ताका अध्यात्मिक प्रवासांतले सकारात्मक पावूल जावनुं ऊर्ध्वगतीचे दिशेन सृजन करचें पावूल जाता.

जीवन अनकलनीय आसून तर्कशास्त्रींक, नीतिशास्त्रज्ञांक, यम, नियमांक लागून चलचे जनांक अगम्य आसा. गुरु परमात्मा प्राप्त जावचाक खंयचोयी कर्म मार्ग, भक्ति मार्ग किंवा ज्ञान मार्ग सूचित करना, शिष्याले गुण स्वभाव समजून घेवनुं योग्य मार्ग दाखयता. मार्गा वयल्यन् प्रवास करत असुर जावचें किं देव जावचें हें मनुष्याक आप–आपण्याले गुण स्वभावाक लागून निश्चय करचें स्वातंत्र्य आसता. प्रवासांतलो मार्ग दाखोवचें दायित्व गुरूलें आसलारियी तो मार्ग कितलो कठीण आसल्यारियी, चलचें हें केवल शिष्यांले उत्तरदायित्व आसता, अन्य कोणांलेयि न्हंय. चलचो सर्व मार्ग महत्वाचें आसताचि अशें ना, चलचो मार्ग खंयचे लक्ष्य धरनुं, खंयचे माध्यम आनि खंयचे साधन वापरनुं प्रवास करचांतु येता हें महत्वाचें आसता. ज्ञान आनि विज्ञानांतु फ़रक आसता. अन्यथा चलचो मार्ग, केलिलें नामस्मरण, पूजा–पाठ, मंत्र जप सर्व व्यर्थ शब्दांचो उच्छार आसतालो – ''तमेव धीरो विज्ञाय प्रज्ञां कुर्वीत ब्राह्मणः । नानुध्यायाद्बहुंछब्दान्, वाचो विग्लापनं हि तत् ॥''.

ज्ञान हस्तांतर करनुं दिवचांतु येता; विज्ञान हस्तांतर करनुं दिवचांतु येना, तें अनुभवचें आसता. शास्त्रांतले ज्ञान भायर दिसचे आकाराचे, शरीराचे, जें ज्ञेय आसा ते शास्त्रांतलो प्रत्येक शब्दार्थ समजून, पृथक्करण करनुं शिखचाक जाता; भितरले दीसनाशिल्लें व्यापक, सखोल अज्ञेय नाम तत्वाचें अध्यात्म विज्ञान पृथक्करण करत नासताना शब्दांतलें रहस्य, गूढार्थ समजून अनुभवांतल्यान आत्मसात् जाता ''शब्दाकरितां कळे अर्थ । अर्थ पाहतां शब्द व्यर्थ । शब्द सांगे तें यथार्थ । परि आपण मिथ्या ॥ शब्दाकरितां वस्तु भासे । वस्तु पाहतां शब्द नासें । शब्द फ़ोल अर्थ असे । घनवतपणें ॥ भूसाकरितां धान्य निपजे । धान्य घेवुनि भूंस टाकिजे । तैसे शब्द भूंस जाणिजे । अर्थ धान्य ॥'' (दासबोध). जे तरेन भूस काडले शिवाय धान्य दीसना, जे तरेन रूप–अकाराका लागून निर्माण जालिले विकार मनांतल्यान विसर्जन जायनांचि तो पर्यंत जे तरेन भूस कडले शिवाय धान्य दीसना, शब्द विसरले शिवाय शब्दांतलो अर्थ समजचो ना, ते तरेन जो पर्यंत क्षेत्राचे रूपान व्याकृत जालिले आकाराचे विकार मनांतल्यान विसर्जन जायनांचिइ तो पर्यंत क्षेत्रज्ञालें अव्याकृत निराकार रूपाचो साक्षात्कार मनांतु जावचो ना.

जे नास्तिक मनुष्याक परमात्मालो अनुभव आपण्याले भितर जायना ताका भायर परमात्मा कशें दिसतालो? पुण जो मनुष्य संवेदनशीळ आस्तिक आसता ताका जे तरेन रुद्वेदांतले ऋशीक – ''सहस्रशीर्षा पुरुषः सहस्राक्षः सहस्रपात् । स भूमीं विश्वतो वृत्याऽत्यतिष्ठद्दशांगुअलम् ॥'' म्हण्णुं साकाशात्क जालिले तरेन परमात्मालें निराकार, निर्गुण, अद्वैत, अव्याकृत अस्तित्व स्रिश्टींतु, स्रिश्टींतले कण कणांतु, प्रत्येक जीव–जंतूंत, जन–जनांवरांतु, चेतन–अचेतन वस्तु–पदार्थांतु बितर–भायर, जशें आसा तशें ते सर्वांतु तो हात–पाय पसरनुं आशिल्लो तरेन – ''सर्वतःपाणिपादं तत् सर्वतोऽक्षिशिरोमुखम् । सर्वतः शृतिमाल्लोके सर्वमावृत्य तिष्ठति ॥'' म्हण्णुं अनुभवत आसता. जे तरेन ऋग्वेदांतले 'सर्वतःपाणिपादं', 'सर्वतोऽक्षिशिरोमुखम्' किंवा 'सहस्रशीर्षा पुरुषः सहस्राक्षः सहस्रपात्' म्हळ्यार परमात्माले रूप–आकार जगा वेगळें, अप्राकृतिक अकराळ–विकराळ प्रमाणाचे, भयंकर रूप–आकारांतु आसता म्हण्णुं न्हंय तर परमात्माले अव्याकृत, सनातन, अनादि, अनंत, व्यापक, विशाल आनि विराट अस्तित्वाचि कल्पना दिवचे खातिर आसता. स्रिश्टींतु असलो एक स्थळ, एक क्षण ना कांय परमात्माले वास्तव ना, हें दाखोवचें आशिल्लें – ''स अदं तत् सर्वतोऽक्षिशिरोमुखम् । सर्वतःश्रुतिमल्लोके सर्वमावृत्य तिष्ठति ॥''.

''अर्जुन वह व्याप्त है ऐसे । अवकाशको आकाश जैसे । वस्त्र रूपसे है तंतु जैसे । होते है व्याप्त ॥ उदकमें जैसे रसत्व । दीपमें जैसे प्रकाशत्व । वैसे व्याप्त है वह तत्व । सदा सर्वत्र ॥ ... आकाशका नहीं होता

आकार । दीखता जैसे वह सर्वाकार । आकाशपे नही होते विकार । वैसी वह वस्तु ॥ ... इस भांति है निर्गुण । भोगता है सब गुण । रंकका राज धारण । स्वप्नमें जैसे ॥'' (ज्ञानेश्वर).

परमात्मा जो अव्याकृत आसता तोचि व्याकृत जावनुं सर्व व्यापून आशिल्यान स्रिश्टींतु वेग-वेगळे रूप-आकारान निर्माण जालिले वस्तु-पदार्थांतु सर्व स्रिश्टीचो स्रश्टा, बिंदु, गूढ रहस्याचें उगमस्थान, अंतिम लक्ष्य, तागेले पयलें, नंतर किंवा तागेले विना कांयी आसचें ना. तोचि सुख आनि दु:ख, शांति आनि अशांति, इहलोक आनि परलोक, स्वर्ग आनि नरक, संसार आनि मोक्ष, जीवन आनि निर्वाण सर्व आसता. जे घटना भायर घडताचि ते सर्व तोचि भितरल्यान सृजन करनुं घडयता. संत तुकारामांनि सांगिल्ले तरेन परमात्माचि सर्व दिशा व्यपून आसता – ''जिकडे पाहे तुकडे उभा, अवध्या गगनाचा गाभा ; डोळी बैसले बैसले, रूप राहोनि संचलें ; न वर्जिता दाही दिशा, जिकडे पाहे तिकडे सरिसा ; तुका म्हणे समपदीं, उभा दिठीचियें आधिं''.

पुण अनेक रूप-आकारान निर्माण जालिले वस्तु-पदार्थ म्हळयार परमात्मा न्हंय. परमात्मा म्हळयार ते रूप-आकारांतु आशिल्लि एक् असामान्य, अलौकिक शक्ति जाका लागून निर्माण करचो निर्माता, परमात्मा निदर्शन जाता. परमात्मा वस्तु-पदार्थांतु आपण्याले माया योगशक्तीक लागून भितर प्रस्थापित जावनुं आसल्यारियी दूर आशिल्ले तरेन भास जाता – ''बहिरंतश्च भूतानामचरं चरमेव च । सूक्ष्मत्वात्तदविज्ञेयं दूरस्थं चांतिके ॥''. जें भितर आसा, तें मनुष्य भायर शोधत आसता. देकून जें शोधत आसता तें ताका प्राप्त जायना. जे मनुष्याक भितर स्वत:चे अंतरात्मांतु आशील्ले परमात्माले दर्शन जायना ते मनुष्याक भायर स्रिश्टींतु, झाडांतु, फुलांतु, फ़लांतु, आकाशांतु, पर्वतांतु, नदींतु, जीवांतु आसिल्ले परमात्मा कशें दिसतालो ? स्वत:चे अंतरात्मांतु आशिल्ले परमात्मालें ज्ञान जर ताका ना तर दुसर्यांले अंतरात्मांतु आशील्ले परमात्मालि ओळख कशें आसतालि? जर स्वत:चे भितरलो परमात्मा दीसना तर भायर देवकीपुत्र कृष्णांतु तो कशें दिसतालो? जर कृष्णांतु तो परमात्मा पळयना तर सर्व स्रिश्टींतु तो कशें पळयतालो? मान्य आसा किं जो पर्यंत मनुष्याक राम, कृष्ण अंतरात्मांतु दिसचो ना तो पर्यंत राम, कृष्ण भायर मंदिरांतु किंवा जनांतु दिसचो ना. जे दिवस राम, कृष्ण अंतरत्मांतु दिसताले ते दिवस राम, कृष्ण रावण आनि शिशुपालांतु सुद्धां दिसतालो. तरियी परमात्मा विशय अनन्य आनि अव्यभिचारि भक्ति दवरचि कठीण आसल्यारियी परमात्मा सर्वत्र, भायर-भितर, सर्व दिकान, दिशेंतु पसरिलो आशिल्यान प्रवासाचि तयारि सुरवात केल्यार काळंतरान प्रवास पूर्ण जावनुं परमात्मालो साक्षत्कार जालिले मनुष्याले द्रिश्टिकोण व्यापक जावनुं जीवन आनि वागणूक सखोल, अर्थपूर्ण जातालि.

देकून कृष्ण अध्यात्माचे शोधांतु आशिल्ले अर्जुनाक आवश्यक ज्ञान-विज्ञान विस्तारान निरूपण करत आसा. स्वाध्यायान परिपूर्ण आशिल्ले ज्ञानीक तो अज्ञेय आसल्यारियी ज्ञेय आसता, अप्राप्त अशें दिसल्यारियी प्राप्त जावचे तशें, प्राणापेक्षां लागीं आनि आकाश पेक्शा दूर आनि व्यापक पसरलेलो आसता – ''परान्मुखानां गोविंदे विषयासक्तचेतसाम् । तेषां तत् परमं ब्रह्म दूराद् दूरतरे स्थितम् । तान्मायत्वेन गोविंदे ये नारायणश्चेतसा: । विषयस्त्यागिन्सेषां विज्ञेयं च तदंतिके ॥''. तोचि एक परब्रह्म परामात्मा आसा जो ब्रह्मा, विष्णु, महेश्वर हे तीन स्वरूपांतु ''उद्गीतं एतत् परमं तु ब्रह्म तस्मिन् त्रयं सुप्रतिष्ठाक्षरम् ।'' सर्व स्रिश्टी धारण-पोषण आनि संहार करता. तीन तरेन प्रकट जालिले ते परब्रह्माक शतश: प्रणाम आसूं – ''बहुलरजसे विश्वोत्पत्तौ भवाय नमो नम: । प्रबलतमसे तत्संहारे हराय नमोनम: । जनसुखकृते सत्त्वोदृक्तौ मृडाय नमो नम: । प्रमहसि पदे निस्त्रैगुण्ये शिवाय नमो नम: ॥''. हे तरेन व्याकृत जालिलें क्षेत्रांतु परमात्मा एकमेव क्षेत्रज्ञ म्हण्णुं संकेत करचांतु येता. ''देव पाहावया कारणें । देऊळें लागति पाहणें । कोठें तरी देउळाच्या गुणें । देव प्रगटे ॥ देउळ म्हणिजे ना शरीरें । तेथें राहिजे जीवेश्वरें । नाना शरीरें नाना प्रकारें । अनंत भेदें ॥ चालतीं बोलतीं देउळें । त्या मध्यें राहिजें राउळें । जितुकीं देउळें तितुकीं सकळें । कळलिं पाहिजे ॥'' (दासबोध).

जर परमात्मा शाश्वत, सनातन, अद्वैत, अविभक्त रूपान विश्व व्यापून आसा तर स्रिश्टी रूपान व्याकृत जालिलें रूप-आकार सुद्धां शाश्वत आनि सनातन आसचें मनुष्याक अपेक्षित आसता. भ्रमाक लागून शरीर

म्हळयार 'हांवु' 'तूं' म्हण्णुं भास जायत आसता. भ्रमाक लागून उपासाक आनि ईश्वरभाव निर्मान जाताचि. वास्तविक सर्व दृश्य जग हें भ्रमाचेंचि कारन जावनुं आसा – ''भ्रमाहं भ्रमेण त्वं भ्रमेणोपासका जनाः । भ्रमेणश्वरभावत्वं भ्रममूलमिदं जगत् ॥''.

जो पर्यंत मनांतु बुद्धि, अहंकार आसता तो पर्यंत पर्यंत मनुष्य सर्व घटनेंतु श्रेय–प्रेय, शुद्ध–अशुद्ध, पवित्र–अपवित्र, बरें–वायट, परमात्मा–जीवात्मा हे तरेन द्वंद्व पळयत आसता. पुण इंद्रियांचे मुखांतर मेळचे प्रत्येक द्वंद्व अनुभव सीमा आसून तांका सुरवात आनि अंत आसता. ''सगुणास नाश आहे । प्रत्यक्षास प्रमाण काये । सागुणब्रह्म निश्चयें । नासिवंत ॥ निर्गुण ऐसें जें नांव । त्या नाअंवास कैंचा ठव । गुणेंविण् गौरव । येईल कैंचे ॥ .. ग्रामो नास्ति कुतः सीमा । जन्मेविण जीवात्मा । अद्वैतासी उपमा । द्वैताचि ॥'' (दासबोध). देकून सीमित आनि अशाश्वत अनुभवाचे आधार घेवनुं असीम आनि शाश्वत परमात्मालो शोध घेवचें धोखादायक आसता. ज्ञानी मनुष्य जाणता किं परमात्मालो साक्षात्कार अद्वैत आशिल्यान इंद्रियां पासून निर्माण जावचे द्वंद्वाचे पेलतडेन वचूनचि प्राप्त जावू शकता.

शाश्वत, सनातन, अद्वैत, अविभक्त रूपान आशिल्लो परमात्मा स्रिश्टींतु विभकत जालिले तरेन दिसल्यारियी तो सर्व स्रिश्टीचो निर्माण करचो स्रोत, संरक्षण करचो वृख्श आअनि संहार करचो काळ म्हण्णुं जाणचाक जाय. कारण भितर आशिल्लो परमात्माचि सर्वस्व आसून अविभक्त रूपांतु गूढ रहस्याचो उगमस्थानांतलो बिंदु तेचि तरेन आकाशा तरेन व्यापाक, परिपूर्ण, अगम्य आसता. तरि पुण भूतजातींतले प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाक लागून विंग–विंगड आकारान आनि सुख–दुःख, शांति–अशांति, संसार–मोक्ष, जीवन–निर्वाण, इहलोक–परलोक, स्वर्ग–नरक असले द्वंद्व विकारान विभाजन, विभक्त जावनुं सर्व चराचर भूतजातींले धारण–पोषण, तेचि तरेन संहार करचो परमात्मा म्हण्णुं जाणचाक योग्य आसता – ''अविभक्तं च भूतेषु विभक्तमिव च स्थितम् । भूतभर्तुं च तज्ज्ञेयं ग्रसिष्णु प्रभविष्णु च ॥''.

अव्याकृत परब्रह्म परमात्मालें रूपमैश्वर्य सहस्र सूर्या तरेन तेजस्वी, सर्व ज्योतीपेक्षां श्रेष्ठ, आकाशा तरेन विशाल, विराट, व्यापक, अवर्णनीय आसून सर्वांले अंतरंगांतु प्रस्थापित जालिलो आसता – ''ज्योतिषामपि तज्ज्योतिस्तमसः परमुच्यते । ज्ञानं ज्ञेयं ज्ञानगम्यं हृदि सर्वस्य विष्ठितम् ॥''. मनुष्याक तें इंद्रियांचे माध्यमान उपलब्ध ना – ''अकृत्स्नोऽ हि सः''. देकून मनुष्य परमात्मा लागीं आसल्यारियी दूर आसा अशें समजता. केवल नाम–रूपांतु व्याकृत जालिले तागेले अनंत अविष्कार मात्र द्रिश्टीक पडताचि. देकून निराकार परमात्माक स्रिश्टींतु व्याकृत जावनुं निर्माण जालिले भौतिक साकार प्रतीकं, प्रतीमा, रूप–आकारांक अध्यात्मिक विकासाचे प्रवासांतु प्रभावी माध्यम करनुं जाणचाक जाय –''... आत्मेत्येवोपासीत, अत्र ह्येते सर्व एकं भवंति । तदेत्पदनीयमस्य सर्वस्य यदयात्मा, अनेन ह्येतत्सर्वं वेद ।''.

सामान्यतः मनुष्य परमात्माले दर्सन घेवचाक मंदिरांतु येता पुण तागेलि द्रिश्टी आनि ध्यान संसारा वयर घुट्मळत आसता. परमात्माले दर्सन जावचें आसल्यार मनुष्याक तागेलि द्रिश्टी आनि ध्यान संसारा वयलि द्रिश्टी आनि ध्यान विसर्जन करनुं द्रिश्टी आनि ध्यान मंदिरांतले देवा वयर केंद्रित करचाक जाय. अथवा स्रिस्तींतु व्याकृत जावनुं आशिल्ले प्रत्येक अणुरेणूंतु, कणकंआतु समावेश जावनुं आशिल्ले क्षेत्रज्ञा विशयाचें विज्ञान आनि क्षेत्र–क्षेत्रज्ञा मदलो संबंद समजून घेवचाक जाय, जें जाणिल्यान मनुष्यपरमात्माले प्रति भावोन्मुख जावनुं तागेलें अमृत आनि अक्षय स्थान प्राप्त कराता – ''इति क्षेत्रं तथा ज्ञान ज्ञेयं चोक्तं समासतः । मद्भक्तः एतविज्ञाय मद्भावायोपपद्यते ॥'' म्हण्णुं कृष्ण आश्वासन दिता. ही जाणीव मनुष्याक मानसिक अव्स्थेंतल्यान प्राप्त जायन तर अंतःकर्णांतु अनुभविल्यान प्राप्त जाता.

किंबहुना प्रकृति आनि पुरुष हे सनातन, शास्वत परमात्मले दोन भाव आसून जे प्रकृतींतु विकार दिसताचि ते प्रकृतीक लागून आसाचि – ''प्रकृतीं पुरुषं चैव विद्ध्यनादी उभावपि । विकारांश्च गुणांश्चैव विधि प्रकृतिसंभवान् ॥''. संत ज्ञानेश्वर म्हणताचि – ''पुरुष अनादि है साथी । उसकि रही है प्रकृति । जैसे है दिवस

और राति । दोनों अनादि ॥ रूप नहीं होता व्यर्थ । छाया होति उसके साथ । दाने सह भूसा भी पार्थ । बढता जैसा ॥ दोनो रहते है वैसे साथ । प्रकृति पुरुष होते व्यक्त । परस्पर चिपके है पार्थ । अनादि सिद्ध ॥''.

पुरुष आनि प्रकृति सनातन, शाश्वत आसल्यारियी प्रकृतींतु दिसचे विकारांक सुरवात आनि अंत आसता. विकार प्रकृतींतु जन्म घेताचि प्रकृतींतु बदलत, रूपांतर, परिवर्तन जायत युगाचो अंत समय आयले किं नाश जाताचि. देकून प्रकृति सर्व कर्म आनि कर्मफ़लाचि उगमस्थान आसून पुरुष कर्मफ़ालांचो भोग अनुभवता – ''कार्यकरण हेतु: प्रकृत्तिरुच्यते । पुरुष: सुखदु:खानां भोकृत्वे हेतुरुच्यते ॥''.

कृष्ण एक नवो विचार मुखार दवरता. प्रकृती बरोबर सम्समानता दाखय नासतान प्रकृतींतु अंशरूपान प्रस्थापित जालिलो पुरुष त्रिगुणांक लागून शुद्ध–अशुद्ध, पवित्र–अपवित्र जन्म घेवचाक कारारूप जाता – ''पुरुष: प्रकृतिस्थो हि भुंक्ते प्रकृतिजान् गुनान् । कारणं गुणसंगोऽस्य सदसद्योनिजन्मसु ॥''. परमात्मालि अमोघ शक्ति सर्वांले भितर शरीरांतु, अंतरात्मांतु एक मित्र, गुरूले रूपान आसून भायर व्यक्त जावचे सर्व घटनेंचो साक्षी, द्रश्टा म्हण्णुं शरीरा बरोबर संबंध जोडनुं संसारांतले सर्व घटनेंक संमति दीट आशिल्यान अनुमंता म्हण्णुं ओळखुवचांतु येता. सर्वांक धारण करत आशिल्यान तो धर्ता, उदरभरण करता म्हण्णुं भर्ता, उपभोग घेता म्हण्णुं भोक्ता, देवांलो देव आशिल्यान महेश्वर म्हण्णुं ओळखुवचांतु येत भितर प्रस्थापित जावनुं आशिल्लो देवादिदेव परमात्मा म्हण्णुं पुरुष ओळखुवचांतु येता – ''उपद्रश्टाऽनुमंता च भर्ताभोक्ता महेश्वर: । परमात्मेति चाप्युक्तो देहेऽस्मिन् पुरुष: पर: ॥''.

भौतिक ज्ञान आनि अध्यात्मिक विज्ञानांतु इतलोचि फ़रक आसता किं भौतिक ज्ञान इंद्रियांचे मुखांतर मेळोवचें, ंद्रियांचे मुखांतर हास्तांतर करचाक येता. अध्यात्मिक विज्ञान इंद्रियांचे मुखांतर हस्तांतर करचाक येनासल्यारियी परम्मात्माले शब्दांतल्यान केलिलें वर्णन आयकून, समजून पूजा–पाठ, जप–तप, नाम स्मरण–कीर्तन माध्यम म्हण्णुं वापरनुं इंद्रियांचे पेलतडेन आशिल्ले अध्यात्मिक विज्ञान अनुभवचें सरळ, सुरळीत जाता. किंबहुना ''तीरमें प्रकृति सरिताके । खड मेरु–सा बन करके । प्रवाहमें स्थिर है इसके । प्रतिबिंब मात्र ॥ प्रकृति होति प्रवाहित । स्थिर रहता यह सतत । तभीओ इसमें होत शासित । ब्रह्मांड सारा ॥'' (ज्ञानेश्वर).

शास्त्र दोन शाश्वत अस्तित्वाचि जाणीव करनुं दिवचाक प्रयत्न करता. पुरुष आनि प्रकृति हे दोन तत्व आसून, भाव पुरुष कडचान मेळत जो प्रकृतींतु कर्म रूपान अभिव्यक्त जाता.जें पयलें अजन्म, शाश्वत, सनातन, अनंत, अव्याकृत आसता तें नंतर प्रकृतींतु अनेक आनि विविध रूपांतु, आकारांतु विस्तारित जायत काळांतरान अव्याकृतांतु मिसलता ते व्याकृत अस्तित्व माध्यम करनुं अनुभवचें साध्य जात. कृष्ण म्हणता की जो मनुष्य हे परम पुरुषाक गुणां सयत जाणता ताका पुनर्जन्म ना – ''य ऐवं वेत्ति पुरुषं च गुणै: सह । सर्वथा वर्तमानोऽपि न स भूयोऽभिजायते ॥''.

आत्माचो अनुभव घेवचे अनेक मार्ग, अनेक द्वार आसताचि. थोडे ध्यान मार्गान शरीरांतु आशिल्ले आत्माचो आधार घेवनुं आत्माचो अनुभव घेताचि, अन्य जनसांख्य योगाचे ज्ञान–विज्ञानाक अनुसरून चिंतन–मनन करनुं आत्माचो साक्षात्कार अनुभवताचि. विंगड जनकर्म मार्गाचो उप्योग करनुं करचें कर्म अनासक्त भावनेन यज्ञ कर्म म्हण्णुं करनुं आत्माचो अनुभव घेताचि. अजून दुसरे हे सर्व मार्ग अज्ञात आशिल्ल्यान स्वीकारचाक सक्षम नाशिल्यान ज्ञानि जनां कडचान आयकूनु उपासना करताचि. असले साधक सुद्धां परमात्मालें नाम श्रवण करनुं मृत्यूचे पेलतडेन वताचि – ''ध्यानेनात्मनि पश्यंति केचिदात्मनात्मना । अन्येसंख्येन योगेन कर्मयोगेन चापरे ॥ अन्ये त्वेवमजानंत: श्रुत्वाऽन्येभ्य उपासते । तेऽपि चातितरंत्येव मृत्युं श्रुतिपरायण: ॥''. मार्ग खंयचेयी, द्वार खंयचेयी आसल्यारियी गुण स्वभावाक अनुरूप आसल्यारि मार्ग स्वीकारिल्यान, द्वार उघडिल्यान सर्वांक सर्व मार्ग सरळ, सुलभ फ़लदृप जावनुं परमात्माले दर्शन सहज जाता.

कृष्ण अर्जुनाले निदर्शनाक हाडता किं जे कोन जन्माक येता, चेतन किंअ अचेतन, स्थावर किंवा जंगम, ते क्षेत्र क्षेत्रज्ञाले संयोगाक लागून जन्माकयेताचि – ''यावत्संजायते किंचित्सत्वं स्थावरजंगमम् ।

क्षेत्रक्षेत्रज्ञसंयोगात्तद्विद्धि  भरतर्षभ ॥''. भाव प्रकृती लागीं नाशिल्यान तो पुरुष–परमात्मा पासून प्राप्त जाता. कर्तुत्व प्रकृतीचें आसल्यार भोक्तृत्व पुरुषा लागिं आसता. देकून म्हणचांतु येता – ''शिव: शक्त्या युक्तो यदि भवति शक्त: प्रभावितुम् । न चेद् एवं देवो न खलु कुशल: स्पंदितुम् ॥''.   सागराचे तरंग पोळोवनुं जो मनुष्य सागराचो अनुभव घेवूं शकता तोचि परमात्माले व्याकृत रूप–आकार जन–जनांवर, पशु–पक्षि, वन–वनस्पति, नदी–पर्वतांतु सम–समान पसरिलें दैवी अंश पळयता तोचि परमात्मालें सनातन, शाश्वत, व्यापक, विशाल, विराट अव्याकृत अस्तित्वाचो अनुभव घेवू शकता – ''समं सर्वेषु भूतेषु तिष्ठंतं परमेश्वरम् । विनश्यत्स्वविनश्यंतं य: पश्यति स पश्यति ॥''.  स्वत: अकर्ता आसल्यारियी प्रकृतींतु दिसचे कर्मांतु, अशाश्वत बदलचे, रूपांतरित, परिवर्तन जावचे प्रक्रियेंतु परमात्माक कर्ता आनि शाश्वत अस्तित्व म्हण्णुं पळयता.

सामान्य जन सुलभ मार्ग स्वीकारताचि किंवा मार्ग स्वत:चे गुण स्वभावाक अनुरूप नासल्यारि दुसर्यांक प्राप्त जालिलो यशान प्रभावित जावनुं तो मार्ग स्वीकारताचि. देकून कृष्ण म्हणता किं मनुष्यान आपण्याले गुण स्वभावान प्रभावित जावचो स्वधर्म आनि प्राप्त जालिलें स्वकर्म संवेदनशील जावनुं स्वीकारचाक जाय. तेन्नां प्रकृती पुरुषालें, क्षेत्र क्षेत्रज्ञालें स्थान स्पश्ट जावनुं कसलेंयि पाप–पुण्य, मरण–जन्म, बंधन–मुक्तीचे कल्पनेन प्रभावित जाय नासताना, सुख आयल्यार फ़ुरफ़ुर नासताना, दु:ख आयल्यार निराश जायनासताना शास्त्राचें श्रवण करत, ओंकाराचें स्मरण करत, शास्त्रांतलो यथार्थ समजून, उमजून द्रिश्टी प्रप्त जालिल्यान दर्शन घडनुं अंत:करणांतु ब्रह्मनाद निश्चित अनुभवतालो. सत्य स्वयं प्रकाशित आशिल्यान पोळोवचि क्षमता आसल्यार दिव्याचो प्रकाश नाका. कोणिंयी हीन म्हण्णुं समज नासताना परमात्माले परम स्थान पावता – ''समं पश्यन् हि सर्वत्र समवस्थितमीश्वरम् । न हिनस्त्यात्मनाऽऽत्मानं ततो याति परां गतीम्॥''.

स्रिश्टींतु जें कर्म कर्चांतु येता तें मनुष्य आपण्याले अहंकाराक लागून आपूण स्वत: करतां म्हण्णुं माणता हें कृष्णान पयलेंचि सांगिल्लें आसून आतां हे सत्य जो जाणता तो ज्ञानि मनुष्याले तरेन जें सत्य आसा तेंचि पळयता – ''प्रकृतैव च कर्माणि क्रियमाणानि सर्वश: । य: पश्यति तथाऽऽत्मानमकर्तारं स पश्यति ॥'' म्हाण्णुं सांगता. जे घटना भायर क्षेत्रांतु घडताचि ते सर्व तोचि क्षेत्रज्ञ रूपान भितरल्यान सृजन करनुं प्रकृतीचे माध्यमांतल्यान घडोवनुं हाडता. जीवन अनकलनीय आशिल्यान तर्क शास्त्रींक, नीति शास्त्रज्ञांक, यम–नियमांक लागून चलचे जनांक अगम्य आसा. संसराचे तापत्रयान त्रासिल्लो मनुष्य मात्र न्हंय तर अज्ञात आशिल्लें ज्ञात जावचाक रुचि, कुतूहल, उत्सुकता, उत्कंठता, तितीक्षा आशिल्लो मनुष्य सुद्धां  अविनाशी परमात्मालें नित्य निरंतर चिंतन, मनन, ध्यान–धारणा करता. संसाराचे तापत्रयान त्रासिल्लो मनुष्य परामात्माले अनुग्रहाचि वाट पळयता. अध्यात्मिक भाशेंतु संसारांतले दु:ख आनि तापत्रय परमात्मान दिलिलि सूचना म्हण्णुं मानचो साधक सावधान जावनुं स्वत:चे गुण स्वभावाक लागून परमात्मान जें दिल्यां ते दिलिले खातिर कृतज्ञता व्यक्त करता, आभार प्रदर्शन करता, धन्यवाद दिता. हे तरेचे उदात्त द्रिश्टीकोण आशिल्ले साधकाक अंत:करणांतु शांति आनि परमानंद मेळता.

देकून  मनुष्यान सर्व जन–जनांवरांक, पशु–पक्षींक, वन–वनस्पतीक, नदी–पर्वतांक, सुख–दु:ख, श्रेय–प्रेय, सुंदर–कुरूप, बरें–वायट, सफ़लता–असफ़लता, यश–अपयश सर्व मान्य करनुं जें कर्म करचाक जाय तें  सावकाश सावकाश प्रयत्न, प्रयास करनुं स्वत:चे इंद्रियांवयर नियंत्रण आनि संयम दवरनुं रूप खंयचेयी आसूं, आकार खंयचोयी आसूं परमात्माले दिशेन द्रिश्टी केंद्रित करनुं आपण्याले गुण–स्वभावाक अनुसरून कश्ट आयल्यारियी, श्रम पडल्यारियी, प्रयास करचो पडल्यारियी तें करचाक जाय. स्रीश्टींतले सर्व पळयताना सर्वांतु तो परमात्माले अस्तित्व पोळोवनुं परमात्मालें सच्चिदानंद स्वरूप, परम गति प्राप्त करतालो – ''यदा भूतपृथग्भावमेकस्थमनुपश्यति । तत एव च विस्तारं ब्रह्म संपद्यते तदा ॥''. किंबहुना तोचि सत् स्वरूप जाणता जो आत्मा अकर्ता म्हण्णुं जाणून सर्व कर्मांतु प्रकृतीचो प्रभाव पळयता. जेन्नां स्रिश्टींतले विंग–विंगड घटकांतले भावांतु एक परमात्मालो भाव आनि संकल्प पळयता तेन्नां तो सत् चित् आनंद स्वरूप ब्रह्म पद प्राप्त करनुं करम

करत आसल्यारियी अकर्मा आसून सर्व दोसांतल्यापूर्ण अलिप्त आसता – ''अनादित्वान्निर्गुणत्वात् परमात्माऽयमव्ययः । शरीरस्थोऽपि कौंतेय न करोति न लिप्यते ॥ यथा सर्वगतं सौक्ष्म्यादाकाशं नोपलिप्यते । सर्वत्रावस्थितो देहे तथाऽऽत्मा नोपलिप्यते ॥''.

जे तरेन सूर्य ज्ञान–विज्ञानान परिपूर्ण आसून प्राकृतीचे यम–नियमांक लागून प्रकाश, ऊब किंवा हुनसाण उपलब्ध करनुं दिता ते तरेन परमात्माले परिपूर्ण ज्ञान–विज्ञान प्रसाद रूपान मनुष्यांक संसारांतले अज्ञानाचे अंधःकारंतल्यान मुक्त जावचाक सहज उपलब्ध आसता – ''यथा प्रकाशयत्येकः कृत्स्नं लोकमिमं रविः । क्षेत्रं क्षेत्री तथा कृत्स्नं प्रकाशयते भारत ॥ क्षेत्रक्षेत्रज्ञ्योरेवमंतरं ज्न्यानचक्षुषा । भूतप्रकृतिमोक्षं च ये विदुर्यांति ते परम् ॥''.

परमात्मा विशय जें कृष्ण सांगलें तें सांगिल्ले तरेन समजून घेवचें कठीण आसता, अशक्य ना. कारण ताणें वापरिले शब्द तागेले काळाचे समाजांतले जनांक प्रस्ंग, संदर्भ, शब्दांतलो आशय समजचाक माध्यम म्हण्णुं सूचित केलिले संकेत आशिल्ले. पुण ते अन्य किंव भवैष्या कळांतले समाज किंवा समाजांतले जनांक तेचि तरेन समजचांतु द्वनुं प्रभावित जातालें म्हण्णुं सांगचाक येना. देकून नंतरचे समाजांतले जनांक गुरूलि गरज भासलि. गुरूंक शब्दांचे विवेचन, विष्लेषण करनुं टीका, भाश्य बरोवचें पडलें. वेद काळांतूचि मन्य जालिलें किं वेद संहितेंतु सत्य निपून आशिल्ल्यान शब्दांतलें गूढ रहस्य समजचांतु येना. उपनिषदकारांले मतान तें सत्य स्वाध्याय करनुं जे तरेन बासुरींतल्यान वादक स्वर भायर काडता ते तरेन शब्दांतल्यान सत्याचि समज उपलब्ध करनुं दिवचाक जाय. श्री समर्थ स्मामि रामदास म्हणताचि – ''वेदशास्त्रें आणि पुराणें । महावाक्याचिं विवरणें । तनुचतुष्टयनिर्शने कैसी ती ऐकावी ॥ ऐसें हें अवघेंचि ऐकावें । परंतु सार शोधून घ्यावें । असार तें जाणोनिं त्यागावें । या नांव श्रवण भक्ति ।''.

देकून गीतेंतलो संदेश भविष्य काळंतले जनांक समजचाक शब्द अपुरे पडले. पुण समजचाक शब्द अपुरे आसल्यारियी कृष्णान अर्जुनाक दिलिलो संदेश काळ–समयाचे बंधनान, भुतकाळाचे आचार–विचारांन, संप्रदाय–संस्कारान सीमित जायत नासताना ज्योतींतु परम आनि श्रेष्ठ ज्योतिस्वरूप, स्वच्छ, शुद्ध, पवित्र, पूर्ण आसा. आनि जें सांगचांतु येता तें जर समजचांतु आयलें तर क्षेत्र–क्षेत्रज्ज मदलो संबंध जाणचे ज्ञान्णी संसाराचे बंधनांतल्यान मुक्त जावचो मार्ग प्राप्त केलिल्यानचि मनुष्याक परमात्मालें परम, अव्यय, अक्षय पद प्राप्त जाता – ''क्षेत्रक्षेत्रज्ञयोरेवमंतरं ज्ञानचक्षुषा । भूतप्रकृतिमोक्षं च ये विदुर्यांति ते परम् ॥''.

०००००



# *अध्याय चवदावो*
# *गुणत्रयविभागयोग*

साधक असलो असचाक जाय जो विचारिलेे प्रश्न्यांचे पूर्ण समाधान जाय पर्यंत भौतिक पातळीवयले खंयचेयी आकर्शणान प्रभावित जाय नासताना किंव मनांतु कसलेयी  निश्चित धारणा धरत नासताना मनाचे द्वार उघडे दवरनुं निरूपण केलिले प्रत्येक शब्द श्रद्धेन श्रवण करता. अन्यथा जे तरेन सूर्याले झगमघचे आकर्शक किरणांक लागून सूर्यालें द्वैदीप्त, दिव्य मुख दीस ना ते तरेन व्याकृत जालिलेे स्रिश्टींतु विषय वासना, गुण स्वभाव आनिअनेक आकर्शक वस्तु–पदार्थांक लागून अव्याकृत परमात्मालें स्वरूपमैश्वर्याचो साक्षात्कार जावचो ना.

देकून स्रिश्टींतु व्याकृत जालिले वस्तु–पदार्थ जे तरेन आसताचि ते तरेन दिसताचि किंवा दिसचाक जाय अशें ना. कारण संसारांतु भौतिक पातळीवयर इंद्रियांक लागून मनांतु विशय वासना जागी जाता आनि एक वस्तु–पदार्थ आकर्शक किंवा विकर्शक, सुंदर किंवा कुरूप, बरें किंवा वायट, शुद्ध किंवा अशुद्ध, श्रेय किंवा प्रेय अशें दिसता. अव्याकृत परमात्मालें स्वरूपमैश्वर्याचो साक्षात्कार जावचो आसल्यार ताका ज्ञानी मनुष्याले तरेन इंद्रिय, विशय वासना आनि गुण स्वभावान प्रभावित जाय नासताना किंव मनांतु कसलेयी निश्चित धारणा धरत नासताना मनाचे द्वार श्रद्धेन उघड दवरचें आवष्यक आसता.

संसारांतु सामान्यतः मनुष्याक भौतिक पातळी वयले प्रश्न्यांचे निरसन भौतिक पातळी वयर दृश्टांत दिलिल्यान जाता. परमात्माले विशय विचारिले प्रश्न्यांचे निरसन भौतिक पातळी वयर न्हंय तर अध्यात्माचे पातळी वयर इंद्रिय, विशय वासना, गुण स्वभावान प्रवाविता जालिले नासिल्यान प्राप्त जाता. सविता सूर्य नारायणालें पवित्र, पुण्यदायी मुख पोळोवचे खातिर उपनिषदांतले संवेदनशील ऋशीन परमात्माले मायेक लागून सूर्याले अनेकानेक झगमगचे किरणं कवटाळनुं घेवचाक पूशन् देवाक प्रार्थना करचि पडलि.

योग सूत्रांतु पतंजलीन सांगिल्लें आसा किं जे तरेन इंद्रियांचे प्रभावाक लागून प्राप्त जालिले शारीरिक सुख आनि मानसिक समाधान अध्यात्मिक प्रवासांतु अडथळे निर्माण करताचि ते तरेन अध्यात्मिक साधनेन प्राप्त जालिलि असामान्य सिद्धि परमात्मलो साक्षात्कार घेवचांतु अडथळे निर्माण करताचि. कृष्णान पयलेंचि सांगल्यां किं स्वर्ग–सुखा खातिर वेदांतु सांगिल्ले यज्ञ विधि करनुं जे जन परलोक प्राप्त करताचि ते प्राप्त जालिलें पुण्य क्षीण जाले किं परत हे मृत्युलोकांतु जन्म घेताचि – ''त्रैविद्या मां सोमपाः पूतपापा यज्ञोरिष्ट्वा स्वर्गतिं प्रथायंये । ते पुण्यमासाद्य सुरेंद्रलोकं मश्नंतो दिव्यान्दिवि देवभोगान् ॥ ते तं भुक्त्वा स्वर्गलोकं विशालं क्षीणे पुण्ये मर्त्यलोकं विशंति । एवं त्रयी धर्ममनुप्रसन्ना गतगतं कामकामा लभंते ॥''. देकून स्वर्गादि स्थानावयर राज्य करचे पेक्षा स्वतःचे आत्मावयर राज्य करचें जास्त श्रेयस्कर आसता म्हण्णुं सुरेश्वराचार्य आपण्याले मानसोल्लास हे दक्षिणमूर्ति स्त्रोत्रावयरचे वार्तिकेंतु म्हणताचि – ''स्तोत्रमेतत्पठेद्धीमान् सर्वात्मत्वच्च भावयेत् अर्वाचीने स्पृहां मुक्त्वा फ़ले स्वर्गादिसंभवे । स्वर्गादिराज्यं साम्राज्यं मनुते न हि पंडितः । तदेव तस्य साम्राज्यं यत्तु स्वाराज्यमात्मनि ॥''.

कदाचित् जेन्नां अर्जुनान – ''पृच्छामि धर्मसम्मूढचेता ... स्यान्निश्चितं बृहि तन्मे शिश्यस्तेऽहं शाधि मां त्वां प्रपन्नम् ॥'' म्हण्णुं म्हळ्ळें तेन्नां ताणें विचारिलो प्रश्नो कृष्णालो वयर आशिल्लो तगेले कृष्णाले वयर आशिल्लो श्रद्धेक लागून आशिल्लो. पुण कृष्णाक भौतिक पातळी वयर ज्ञान किंवा अध्यात्मिक पातळी वयर विज्ञान अर्जुनाक दिवचें नाशिल्लें तर तागेलें मनांतले अज्ञान नाश करनुं व्यक्तिमत्व पूर्ण तरेन रूपांतरित करचें आशिल्लें. जें स्पश्टीकरण आतां पर्यंत अर्जुनाक प्राप्त जालें तें भौतिक पातळीवयले ज्ञान आनि अधिभौतिक पातळिवयर विज्ञान आशिल्लें. अध्यात्मिक पातळिवयर सूर्याले तरेन सहस्र पटीन झगमगचें परमात्माले रूपमैश्वर्याचो साक्षात्कार सुद्धां ताका जालिलो. पुण अर्जुनाले मनांतु प्रश्ने अजून आशिल्ले. देकून कृष्ण आतां ताका तर्कान दिवचें ज्ञाना पेक्षा अनुभवान प्राप्त जावचें ज्ञान–विज्ञान जास्त प्रशस्त आसताले – ''परं भूयः प्रवक्षामि ज्ञानानां ज्ञानमुत्तमम् । यज्ञात्वा मुनयः सर्वे परां सिद्धिमितो गताः ॥'' म्हण्णुं सांगून जें ज्ञान दिलिल्यान जन्म–मरणाचे चक्रांतल्यान आनि प्रळयकाळाचे चिंतेंतल्यान मुक्त जातालो इतलेंचि न्हंय तर ताका परमात्माले सान्निध्य प्राप्त जातालें – ''इदं ज्ञानमुपाश्रित्य मम साधर्म्यमागताः । सर्गेऽपि नोपजायंते प्रलये न व्यथंति च ॥''.

परमात्मान स्रिश्टि निर्माण करताना जे साधन, माध्यम वापरले ते निरूपण करतान कृष्ण सामान्य मनुष्यांक समजचे तसले दृश्टांत वापरनुं परमात्मा स्वतः बीज रूपान असून प्रकृतीक माध्यम रूपान उपयोजनेंतु हाडनुं – ''मम योनिर्महद् ब्रह्म तस्मिन् गर्भं दधाम्यहम् । संभवः सर्वभूतानां ततो भवति भारत ॥ सर्वयोनिषु कौंतेय मूर्तयः संभवंति याः । तासां ब्रह्म महद्योनिरहं बीजप्रदः पिता ॥'' स्रिश्टि, अनेक जीव, वस्तु–पदार्थ निर्माण करता म्हण्णुं कृष्ण सांगता.

''मम योनिर्महद् ब्रह्म'' म्हळयार जें स्रिश्टीचे उगम, जन्म, गर्भस्थान जावनुं श्रेष्ठ आसता. ''तस्मिन् गर्भं दधाम्यहम्'' म्हळयार ते गर्भांतु अंशरूपान प्रस्थापित करता. देकून परमात्मा सर्व स्रिश्टीचो जन्मदाता, पिता जावनुं आसा म्हण्णुं उपनिषदांतले – ''रेतस इति मा वोचत, जीवतस्तत्प्रजायते । धानारुह इव वै वृक्षोंजसा प्रेत्य संभवः ॥ ... जात एव ; न, जायते, कोन्वेन जनयेत्पुनः । विज्ञानमानंदं ब्रह्म, रतिर्दातुः परायणम्, तिष्ठमानस्य तद्विद इति ॥'' हे सूत्राचें स्पश्टीकरण विस्तारान मनुष्यांक समजचें तसले शब्दांतु दिता.

''जो है मेरी नित्यता । उसीको वह पता । परिपूर्ण पूर्णता । मेरी उसको ॥ जैसे मै आनंदानंद । सत्यसिंधु हूं अगाध । नहीं है हममें भेद । रहा कोयी ॥ .. नहीं हो तो दीपमूल है एक । उसमें मिली शाखायें अनेक । किंतु वास्तवमें है वह एक । इसी प्रकार ॥ .. यही है जो एक कारण । होती जब सृश्टि निर्माण । तब ही है जन्म–मरण । नहीं उसको ॥ होती है जब सृश्टि निर्माण । तब न जिसे देहधारण । आया उसको कहां मरण । प्रलय–कालमें ॥ .... अव्यक्त वादका मत । कहता इसे अव्यक्त । सांख्य करते प्रतीत । प्रकृति है यह ॥ वेदांति इसको भाया । कहते है प्रज्ञा राया । वैसे ही इसे बताया । यहै अज्ञान ॥ ... इसका होता है एक ऐसा । विचारमें न दीखता जैसा । दीपकके प्रकाशमें जैसा । रहता अंधःकार ॥ अथवा हिलता है जब क्षीर । न दीखती मलई किसी ओर । किंतु जब होता दूध स्थिर । तब वह दीखती ॥ अथवा न जागृति न स्वप्न । नहीं है स्वरूप अवस्थान । अथवा सुशुप्ती है जो घन । वैसी होती ॥ .. ऐसी वस्तु होती है वैसे । वैसी नहीं दीखती जैसे । किंतु विपरीत भी जैसे । नहीं दीखती ॥ न होती रत या तेज । वह संधि जैसे सांज । वैसे विरुद्ध ना निज । है यह अज्ञान रूप ॥'' (ज्ञानेश्वर).

हे तरेन मिसळचे प्रक्रियेचें विवेचन विस्तारान करताना कृष्ण सांगता किं जो मनुष्य करुणा, भूतदया, प्रकाश, सुख, समाधान, शुचिता, निर्माल्य, पावित्र्य हे गुणान जास्त प्रभावित आसता तो सात्विक गुणाचो ज्ञानी, साधु पुरुष म्हण्णुं समजचांतु येता – ''तत्र सत्वं निर्मलत्वात् प्रकाशकमनायम् । सुखसंगेन बध्नाति ज्ञानसंगेन चानघ ॥''. सात्विक जीव इंद्रियांन किंवा विशयांचे आकर्षणान प्रभावित जायत ना तर संसारांतले क्षणिक सुखांचो तिरस्कार आनि घृणा करता. तागेले वयर ज्ञान–विज्ञानाचो प्रभाव आशिल्यान तो ब्राह्मण आसून ब्रह्मज्ञानाचो उपासक आसता – ''विद्या–मानसे तब तोषता । किसि लाभ–मानसे हर्षाता । स्वसंतोषमें धन्य

मानता । अपने आप ॥ ... मै हूं ज्ञानस्वरूप । खोनेका दु:ख आ अमाप । विषय–ज्ञान–लीन आप । चढा गगन ॥ ... मई हूं महा–ज्ञानवान । उझसे नहीं विद्वान । मेरा चित्त है गगन । या सूर्य चंद्रका ॥ ऐसे ही सत्व–सुख–ज्ञानका । जीवसे अलगे बागडोरका । बलसे देता जाता झटका । जूते हुये बलकासा ॥'' (ज्ञानेश्वर).

कृष्ण सांगता किं संसारांतु प्रकृतीक लागून जन्माक आयिले गुण स्वभावाक लागून – ''प्रकृतेः क्रियमाणानि गुणैः कर्माणि सर्वशः ।'', ''सत्वं रजस्तम इति गुणाः प्रकृतिसंभवाः । निबध्नंति महाबाहो देहे देहिनमव्ययम् ॥'' मनुष्य बांदलेलो आसता म्हण्णुं सर्व जाणताचि. मनुष्यालो जन्म गुणांचे मिश्रणाक लागून संभवता. हे तरेन मिसळचे प्रक्रियेचें विवेचन विस्तारान करताना कृष्ण सांगता किं जो मनुष्य करुणा, भूतदया, प्रकाश, सुख, समाधान, शुचिता, निर्माल्य, पावित्र्य हे गुणान जास्त प्रभावित आसता तो सात्विक गुणाचो ज्ञानी, साधु पुरुष म्हण्णुं समजचांतु येता – ''तत्र सत्वं निर्मलत्वात् प्रकाशकमनायम् । सुखसंगेन बध्नाति ज्ञानसंगेन चानघ ॥''. सात्विक जीव इंद्रियांन किंवा विशयांचे आकर्षणान प्रभावित जायत ना तर संसारांतले क्षणिक सुखांचो तिरस्कार आनि घृणा करता. तागेले वयर ज्ञान–विज्ञानाचो प्रभाव आशिल्यान तो ब्राह्मण आसून ब्रह्मज्ञानाचो उपासक आसता – ''विद्या–मानसे तब तोषता । किसि लाभ–मानसे हर्षाता । स्वसंतोषमें धन्य मानता । अपने आप ॥ ... मै हूं ज्ञानस्वरूप । खोनेका दु:ख आ अमाप । विषय–ज्ञान–लीन आप । चढा गगन ॥ ... मई हूं महा–ज्ञानवान । उझसे नहीं विद्वान । मेरा चित्त है गगन । या सूर्य चंद्रका ॥ ऐसे ही सत्व–सुख–ज्ञानका । जीवसे अलगे बागडोरका । बलसे देता जाता झटका । जूते हुये बलकासा ॥'' (ज्ञानेश्वर).

जो मनुष्य कामना, अनुराग, आसक्ति, कर्म करचि प्रवृत्ति, लोभ, अशांतता, असमाधान हे गुणन जास्त प्रभावित आसता तो राजसिक गुणाचो शूर, वीर क्षत्रिय म्हण्णुं समजचाण्तु येता – ''रजौ रागात्मकं विद्धि तृष्णाऽऽसंगसमुद्भवम् । तन्निबध्नाति कौंतेय अकर्मसंगेन देहिनाम् ॥''. राजसिक जीव सात्विक आनि तामसिक गुणांतले मदले स्थितीचो आसून ते दोन विपरीत, अनुकूल आनि प्रतिकूल अवस्थेंतु संयम, समत्व, संतुलन, आचरणेंतु गति, प्रगती, प्रवृत्ति, प्रवाहाचि शक्ति, अग्नीतरेन ऊर्ध्वगतीचि ऊर्जा निदर्शन करता. ''रजका जब स्पर्श होता । जीव काम–मदमें आता । हवा पर सवार होता । चिंतनके यह ॥ अग्नि–कुंडमे घृत सिंचन किया । विद्युताग्निने उसका साथ दिया । कहो अधिक कम क्या रह गया । कहेंगे तब ॥ .. इच्छा दाह अब बढता । मेरु भी हाथ लगता । फ़िर भी वह हि चाहता । और भी बढा ॥ ... कवडी पर जीवन । दे करके बलिदान । कमाकर एक तृण । मानता धन ॥ .. सदा व्रत पर व्रत । करता इश्ट प्राप्यर्थ । कभी कामना रहित । न करता कुछ ॥ .. होत है चंचल मीन । या कामिनी कटक्ष समान । या बिजलीकी गति मान । रहता प्रवृत्तिसे ॥'' (ज्ञानेश्वर).

जो मनुष्य अज्ञान, आलस्य, निद्रा, अशौच, अपवित्र, मोह,

कुरूपता हे गुणन जास्त प्रभावित आसता तो तामसिक गुणाचो असाधु, दुश्ट, असुर म्हण्णुं समजचांतु येता – ''तमस्त्वज्ञानजं विद्धि मोहनं सर्वदेहिनाम् । प्रमादालस्यनिद्राभिस्तैन्निबध्नाति भारत ॥''. तामसिक जीव इंद्रिय आनि विशयांचे आकर्षणान प्रभावित जावनुं संसारांतले क्षणीक सुखांचो उपभोग घेवचांत्य् संलग्न आसता. ''व्यवहारके जो नयन । बंद होते जिसके जान । मोहरात्रीके है जो घन । काले अतीशय ॥ .. अविवेक महामंत्र । मूढता मद्य पात्र । इसका है मोहनास्त्र । जीवोंके लिये ॥ ... पत्थरसा पडा ही रहता । हिलनेकि बात न करता । सदा कुंडली मार बैठता । उठता नहीं ॥ .. सोनेमें करता है मन । नींदको स्वर्गसुख मान । अन्य सब तुच्छ अर्जुन । कहता आप ॥ .. कब कैसे बरतना । किससे कैसे बोलना । साध्य असाध्यका ज्ञान । न होत उसे ॥ .. एवं निद्रा–आलस्य–प्रमाद । तमके रूप है त्रिविध । निरुपाधिकके होते बंध । धनंजय ।'' (ज्ञानेश्वर).

मनुष्य सत्व गुणाक लागून सुख–समधानाचो संकल्प करता, राजसिक गुणाक लागून सत्कर्म करचाक प्रवृत्त आसता, तामसिक गुणाक लागून सर्व काळ प्रमाद, चूक करत आसता. रज आनि तम गुणां वयर नियंत्रण दवरिल्यान सत्व गुण जागृत जाता; सत्त्व आनि तम गूणां वयर नियंत्रण आसल्यार रज गुण जागृत जाता; सत्त्व आनि रज गूणां वयर नियंत्रण आसल्यार तम गुण जागृत जाता. जेन्नां मनुष्याले शरीराचे सर्व द्वार उघडिल्यान

प्रकाश पसरता तेन्नां समजका किं रज आनि तम गुणांवयर नियंत्रण आशिल्यान सात्विक गुणाचो वर्चस्व वाढला. जेन्नां मनुष्याले शरीराचे सर्व द्वार बंद आशिल्यान सात्विक गुणाचो प्रकाश पसरना तेन्नां राजसिक गुणांचे प्रभावाक लागून लोभ, असमाधान वाढता आनि तामसिक गुणाचे प्रभावाक लागून अज्ञान, आळस, मोह, संभ्रम वाढता. सात्विक जीवन निर्मल, पुण्य कर्म केलिल्यान सत्व गुणांचो मनुष्य ज्ञानी मनुष्यांलो सहवास प्राप्त करता; राजसिक जीवन श्रम घेतिल्यान राजसिक गुणांचो मनुष्य कर्तुत्ववान मनुष्यांलो सहवास प्राप्त करता; तामसिक जीवन अज्ञानाचे अंध:कारांतु आशिल्यान तामसिक गुणांचो मनुष्य मूढ, अज्ञानी मनुष्यांलो सहवास प्राप्त करता. सात्विक गुणांक लागून ज्ञान–विज्ञान, राजसिक गुणांक लागून लोभ आनि तामसिक गुणांक लागून भ्रम, आनि अज्ञान प्राप्त जाता.

सत्व गुण ऊर्ध्व गतीक व्हरता, रज मदले स्थितींतु दवरता आनि तम अधोगतीचे दिशेन व्हरत आसता – ''ऊर्ध्वं गच्छंति सत्वस्था मध्ये तिष्ठंति राजसाः । जघन्यगुणवृत्तस्था अधो गच्छंति तामसाः ॥''. हे तिन्नियी गुण मनुष्याले मनावयर विभक्त रूपान स्वतंत्रतायेन प्रभावित करनांचि तर एकमेकांतु मिसळनुं अनेक तरेन एक दुसर्यांक कमिं जास्त प्रमाणान प्रभावित करत आसताचि. जर व्यक्तित्व केवल एक गुणांन प्रभावित जायत आसल्यार मनुष्य देव किंवा दानव म्हण्णुं स्पश्ट, सुलभ, सरळ, सुरळित जायत आशिल्लें. पुण मनुष्याले जीवनांतु तशें जायना. ''जैसे जैसे कस–हीन । होता सोनेमें मिलन । बढ स्वर्णका वजन । होता अवमूल्य ॥ .. जब क्षेत्रज्ञ–दशा । आत्मा छू लेता जैसा । यह देह मै ऐसा । कहने लगता ॥ जन्मसे मरण पर्यंत । देहके धर्ममें समस्त । यह जो ममत्वका है सूत । पिरोता है ॥'' (ज्ञानेश्वर).

कृष्णाले विशाल, व्यापक, द्वंद्वातीत व्यक्तिमत्व ध्यानांतु घेत नासताना मनुष्य संसारांतु त्रिगुणांचे प्रभावाक लागून कृष्ण एक समान्य मनुष्य म्हण्णुं समजून ताका द्वंद्व, खंड–खंडातु पळयता. पुण कृष्ण एक गुणाक प्राधान्य आनि दुसरे गुणाक दुय्यम स्थान दीत नासताना ते सर्व गुणांवयर अधिपत्य करत आशिल्यान तो हे तीन्नीं गुणांचे पेलतडेन वचून मनुष्यांक तांगेले गुणा सयत स्वीकार करता. देकून तागेले व्यक्तिमत्व शुद्ध, स्वच्छ, सहज, सरळ, निर्मल, नितळ, निर्द्वंद्व, पवित्र आसता. किंबहुना जेन्नां मनुष्य संसारांतले त्रिगुणात्मक अस्तित्वांतल्यान मुक्त जाता तेन्नां तो सुद्धां शुद्ध, स्वच्छ, सहज, सरळ, निर्मल, नितळ, निर्द्वंद्व, पवित्र जावनुं निर्वाण, मोक्ष, स्वर्ग, परमात्माले परम पद प्राप्त करचाक अधिकार प्राप्त करता – ''नान्यं गुणेभ्यः कर्तारं यदा द्रश्टऽनुपश्याति । गुणेभ्यश्च परं वेत्ति मद्भावं सोऽधिगच्छति ॥ गुणानेतानतीत्य त्रीन् देही देहसमुद्भवान् । जन्ममृत्युजरादुःखैर्विमुक्तोऽमृतमश्नुते ॥''.

अर्जुनालें कुतूहल जागें जालिल्यान तो आतां कृष्णाक मनुष्य कशें तीन गुणांन प्रभावित जाता, कशें वागता, कशें गुणातीत जाता म्हण्णुं विचारता – ''कैलिंगैस्त्रीन् गुणानेतानतीतो भवति प्रभो । किमाचारः कथं चैतांस्त्रीन् हुणानतिवर्तते ॥''. उत्तररूपान कृष्ण सांगता किं जो मनुष्य सत्वगुणाचो प्रकाश, रजोगुणाचि प्रवृत्ती किंवा तमोगुणाचे मोह प्रभावित जायना तो गुणातीत जालिल्यान तागेले मन विचलित जायना, तो कसलेंयी अपेक्षा करना, कोणांलोयी द्वेश करना. तटस्थ, उदासीन आसून बुद्धींतु स्थिर, निश्चिंत आसता – ''प्रकाशं च प्रवृत्तिं च मोहमेव च पांडव । न द्वेश्टि संप्रवृत्तानो न निवृत्तानो कांक्षति ॥ उदासीनवदासीनो गुणैर्यो न विचल्यते । गुणा वर्तंत इत्येव तीऽवातिष्ठति नेंगते ॥''. सदा आत्मभावांतु उरनुं सुख–दुःख तेचि तरेन माति, पाथ्हर, भांगर समसमान पळयता, प्रिय–अप्रिय, मान–अपमान समसमान समजून मित्र–वैरी विशय सम दृश्टी दवरनुं सर्व कार्यापासून दूर आसता, तो मनुष्य गुणातीत आसता – ''समदुःखसुखः स्वस्थः समलोष्टाश्मकांचनः । तुल्यप्रियाप्रियो धीरस्तुल्यनिंदात्मस्तुतिः ॥ मानापमानयोस्तुल्यस्तुल्यो मित्रैर्पक्षयोः । सर्वारंभपरित्यागी गुणातीतः स उच्यते ॥''. ''कपडेमें अंदर बाहर । होत है तंतू ही धनुर्धर । वैसे देखता है चराचर । विश्वमें मद्रूप ॥ रिपु भक्तमें जैसे समान । रहता है परमात्मा जान । वैसे ही सुख दुःख अर्जुन । एकसे एकको ॥'' (ज्ञानेश्वर).

मनुष्यालि द्रिश्टि स्थूल शरीराचे आकारावयर स्थिर जायत आशिल्यान शरीर नाश जावचें सनातन सत्य म्हण्णुं मानता. अन्य स्थूल शरीराचे बरोबर संबंध बांदता, प् शरीरांतु अंश रूपान जन्म–मरणाचे पेलतडेन

आशिल्लो सूक्ष्म आत्म तत्वा बरोबर करना ही संसाराचि स्वाभाविक परिभाशा जावनुं आसा. एक संबंध किंवा वस्तु–पदार्थान सुखा मेळनासल्यार दुसरे संभ्बंध किवा जास्तन् जास्त वस्तु–पादार्थ लागी करचंतुधडपडत आसता. वास्तवांतु मनुष्य मरणाचे विचारान तितलो भियेना जितलो तो तागेले स्थूल शरीर नाश, एकत्रित केलिले आप्त–बांधव, वस्तु–पदार्थ, धन–संपत्ती, यश–ऐश्वर्या पासून संबंध नाश जातलो म्हण्णुं तो भीत आसता.

ताजे विपरीत ज्ञानी मनुष्य ज्ञान–विज्ञानाक लागून आत्मा अविनाशी आनि जन्माक आयिले प्रत्येक शरीर, एकत्रित केलिले आप्त–बांधव, वस्तु–पदार्थ, धन–संपत्ती, यश–ऐश्वर्य नाश जावचें अटल आनि निश्चित आशिल्यान श्री शंकराचार्यांनि – ''को नाम बंध: कथमेष आगत: कथं प्रतिष्ठस्य कथं विमोक्ष: । कोऽसावनात्मा परम: क: आत्मा तयोर्विवेक: कथमेतदुच्यताम् ॥'' म्हण्णुं सूचित केलिले तरेन मृत्यू कोणांलो जाता, भायर दिसचें शरीराचो किं भितर आशिल्लो आत्मालो, आत्मा आसल्यार आत्मा म्हळयार कितें म्हण्णुं रूप–आकारांन आकर्शित जाय नासताना सर्व इच्छा, कामना, आकांक्षा पासून तटस्थ, निरुद्देश्य, निर्विचार, स्वच्छंद जावनुं उत्सुकता, कुतूहलान प्रश्ने विचरत सुख समाधानाचें स्रोत शोधता. हे प्रयत्नांतु उपनिषदांतु सांगिल्लो तरेन – ''इहैव संतोऽथ विद्मस्तद्वयम्, नचेदवेदिर्महति विनष्टि: । ये तद्विदुर्मृतास्ते भवंति, अथेत ते दु:खमेवापियंति ॥'' मृत्यु जीवनांतलो एक प्रभावी माध्यम जावू शकता.

कृष्ण जे तरेन अविनाशी द्वैदीप्त ज्ञान–विज्ञानाचो प्रतीक आसता ते तरेन सनातन धर्माचो आश्रय स्थान सुद्धां जावनुं आसता. देकून ''मां च योऽव्ययैभिचारेण भक्तियोगेन सेवते । स गुणान् समतीत्यैतान् ब्रह्मभूयाय कल्पते ॥'' म्हण्णुं सांगता. हे श्लोकांतु कृष्णान वापरिले 'अव्यभिचारेण, भक्तियोगेन' हे शब्दांचे विवेचन संत ज्ञानेश्वर – ''तब कौन हूं मैं कैसी भक्ति । अव्यभिचारकी अभिव्यक्ति । होना उसकी पूर्ण निश्चिति । अत्यावश्यक ॥ तब तू सुन अर्जुन । यहां है मेरा क्या स्थान । रत्नमें तेज जो रत्न । वैसा हूं मै ॥ या द्रवणवत है नीर । या अवकाश है अंबर । या मिठास ही है शक्कर । नही भिन्न ॥ ... इस प्रकार जो मुझको जानता । उसको अव्यभिचारी भक्ति कहना । विश्वमें और मुझमें भेद देखना । व्यभिचारी भक्ति ॥ .. सोनेसे जैसे सुवर्ण । जडा जाता है अर्जुन । वैसे आपनेसे भिन्न । न मानना मुझे ॥ भूतलमें जैसे परमाणू । हिमाचलमें है हिमकण । वैसे मुझमें कर अर्पण । आपनेको तूं ॥ तरंग होता छोटा अर्जुन । किंतु न होता सिंधुसे भिन्न । वैसे ईश्वरसे नहीं भिन्न । कुछभी यहां ॥ ... यह जो है स्थिति । ब्रह्मत्व है कहलाती । मेरी अव्यभिचारि भक्ति । देती है यह ॥ .. पानी जो गंगामें बहता । सिंधूसे निश्चित मिलता । इसमें नही है अन्यथा । उसी भांति ॥ ज्ञान दृश्टिसे जो अर्जुन । करता है मेरा सेवन । होता है वह जुडा रत्न । ब्रह्म पदका ॥'' म्हण्णुं करताचि.

प्रवास ल्हान आसूं किंवा लांब आसूं पयलें पावूल दवरले शिवाय प्रवास सुरु जवचो ना. आनि अध्यात्माचो प्रवास कितलो शीघ्र सोंपतालो हें मनुष्यालें भौतिक क्षमते वयर न्हंय तर अध्यात्मिक क्षमतेवयर अवलंबून आसता. क्षमता संवेदनशील आनि तीक्ष्ण आसल्यार प्रवास शिघ्र फ़लद्रूप जावनुं सोंपतालो ; क्षमता उणें आसल्यार जन–जन्मांतराचो प्रवास अजून संवेदनशील आनि तीक्ष्ण करचो पडतालो. कारण परमात्मालो दिशेन वच्चो मार्ग अनेक आसल्यारियी परमात्मालें लक्ष्य हें एकचि आसता. सामान्यत: मनुष्य त्रिगुणात्मक प्रकृतिचो खेळ पळयत आसता, प्रकृतिचे पेलतडेन आशिल्लो त्रिगुणातीत परमात्मालें अस्तित्व पळयना. देकून धारण अंतिम लक्ष्या वयर आसचाक जाय, कारण मार्गावयर दोन्नीं बाजून फ़ुलचें फ़ूल, फ़लचें फ़ल कांयि मागना तरियी आकर्शक आसून जें जाय तें दिताचि. मार्गावयलो दर एक फ़ुलाचो, फ़लाचो आकार, रंग पोळोवका, सुगंधाचो स्वाद घेवका पुण सुगंध अनि स्वाद घेताना एक मेकांचि तुलना करचें न्हंय, मन लक्ष्या पासून विचलित जावचें न्हंय. अखेरचें लक्ष्य महत्वाचें आसता; मार्गा वरयचे फ़ुल्लं, फ़लं वयर न्हंय. मार्गावयर प्रवास करताना प्रतिपल, पावलान पावूल अध्यात्म अनुभवचे क्षण आसताचि. प्रवास सुरु करनुं मार्गा वयर पयलें पावूल दवरचे पयलें लक्ष्य निश्चित आसल्यार इंदियां नियंत्रणेंतु दवरनुं मन लक्ष्या वयर केंद्रित केलिल्यान मार्गावयर

दोन्नीं बाजून फ़ुलिलें फ़ुलांक आनि फ़लांक लागून आकर्षित जाय नासताना मन शांत आनि अंत:करण समाधानी आसतालें.

सामान्यत: खंय मनुष्यालि पाठ आसता थंय तागेलें द्रिश्टि आसना. लक्ष्याचे दिशेन पाठ करनुं उभों आसल्यार तागेलें द्रिश्टीक लक्ष्यदिसचें ना. देकून खंय लक्ष्य आसता ते दिशेन तागेलि द्रिश्टि आसचाक जाय. थंय द्रिश्टी केंद्रित जावनुं आसल्यार ताका अन्य दिशेन पोळोवचें आवश्यक आसचें ना, परमात्मा दूर आकाशांतु न्हंय तर तागेलें लागींचि फ़ूल सहज फ़ुलिलें तरेन परमात्मा सहज प्रकाशित जातालें. आनि जें तरेन फ़ुलिलें फ़ूल सुगंध सहज सरळ सर्व दिशेन पसरायता ते तरेन परमात्मालें साक्षात्काराचि अनुभूति संसारांतु सर्व दिशेन पसरनुं मनुष्य त्रिगुणांचे पेलतदेचों अनुभव प्राप्त जावचाक सक्षम जाता.

प्रकृतिजन्य त्रिगुणांक लागून केलिलें कर्म मनुष्याक संसारांतलें बंधनांतु अडकायता, अन्य कोणांकयी न्हंय. जर कोणि एक मनुष्य समजता किं जें कर्म करचांतु येता किंवा करचांतु येना तें सर्व तागेलें मनुष्य प्रयत्नाक लागून संभवता तर ते कर्म केलिल्यान किंवा केलिलें नाशिल्यन ते कर्म–अकर्माचे उत्तर दायित्व ताकाचि घेवचें अनिवार्य आसतालें. जर जें कर्म करचांतु येता किंवा करचांतु येना तें सर्व तागेलें प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाक लागून संभवता तर तें कर्म केलिल्यान किंवा केलिलें नाशिल्यन ते कर्म–अकर्म यज्ञकर्म रूपान पर्तिवर्तन जावनुं ताज्जें उत्तर दायित्व ताका घेवचें पडचें ना. आनि कर्म बंधनांतल्यान अबाधिता, निश्चिंत आनि निश्चित मुक्त जाता, हें कृष्णालें आश्वासना आशा.

जों मनुष्य कृष्णाक सात्विक, राजसिक आनि तामसिक गुणांचे पेलतडेन वचून ब्रह्मा, विष्णु आनि महादेवांलें रूपान परमात्मालों प्रतिनिधी – ''ब्रह्मणो हि प्रतिष्ठऽहममृतऽतस्याव्ययस्य अच । शश्वतस्य च धर्मस्य सुखस्यैकांतिकस्य च ॥'' म्हण्णुं नितांत श्रद्धेन मान्य करता ते मनुष्यालि भक्ति आव्यभिचारी भक्ति जावनुं त्रिगुणांचे पेलतडेनचि सत्–चित्–आनंदस्वरूपी अवस्था प्राप्त जावनुं कृष्ण परमत्मा परब्रह्मालें पातळीवयल्यान स्रिश्टी, स्थिति आनि लयाचे समग्र ज्ञान–विज्ञान संसाराक दिवचों परमगुरु, विश्वगुरु जाता.

''ब्रह्म नामका आधार । मै हूं यहां धनुर्धर । और अन्य शब्दका सार । वहभी मै हूं ॥ जैसा मंडल और चंद्रमा । अभेद होते हैं जान मर्म । वैसे ही मै मैं और है ब्रह्म । एकरूप ॥ तथा नित्य जो निष्कंप । अनावृत्त धर्मरूप । सुखरूप जो अमाप । अद्वितीय ॥ विवेक अपना काम । करके मिलता धाम । निष्कर्षका है नि:स्सीम । वह भी मै हूं ॥'' (ज्ञानेश्वर).

०००००



# *अध्याय पंदरावो*
# *पुरुषोत्तम योग*

परमात्मालें सत्य–स्वरूप जे तरेन आसा ते तरेन वर्णन करचाक येना – ''न तस्य प्रतिमाऽस्ति यस्य नाम महद् ब्रह्म ।'' म्हण्णुं वेदवचन आसा. परमात्मालें सत्य–स्वरूप अगम्य, अनाकलनीय आनि समजचाक कठीण आशिल्यान शास्त्रांतु भौतिक पातळीवयर अश्वत्थ झाडाचि उपमा परमात्मा म्हण्णुं न्हंय तर परमात्मालो दिशेन निदर्शन करचो प्रभावी दृश्टांत म्हण्णुं कठ उपनिषदेंतु – ''ऊर्ध्वमूलोऽवाक्शाख एषोऽश्वत्थ सनातनः तदेव शुक्रं तद्ब्रह्म तदेवामृतमुच्यते ॥'' म्हण्णुं उपयोजनेंतु हाडिले आसा. तोचि दृश्टांत गीतेंतु पुनरावर्तन करनुं – ''ऊर्ध्वमूलमधःशाखमश्वत्थं प्राहुरव्ययम् । छंदांसि यस्य पर्णानि यस्तं वेद स वेदवित् ॥'' म्हण्णुं व्याख्या केलिलि आसा. कृष्ण म्हणता किं हे आश्वत्थ झाडाचे फ़ांद्यांक विशयभोगाक प्रवृत्त करचो त्रिगुणात्मक इंद्रियांक दीवनुं सकयल दिशेन पसरचो फ़ांदे मनुष्याक संसारांतु कर्मरूपान बंधन आसताचि – ''अधष्वोर्ध्वं प्रसूतास्तस्य शाखा गुणप्रवृद्धा विषयप्रवालाः । अधश्च मूलान्यनुसंततानि कर्मानबंधीनि मनुष्यलोके ॥''.

क्रांतदर्शी ऋशितुल्य श्री शंकराचार्यानिं कठोपनिषाचे भाष्य करताना 'ऊर्ध्वमूल' म्हळयार काळापेक्षा सूक्ष्म, सर्वांचो कारणरूप, नित्य सनातन परमात्मा – ''ऊर्ध्वमूलं कालतः सूक्ष्मत्वात् कारणात्वात् नित्यत्वात्महत्त्वाच्च उच्यते ऊर्ध्वमिति ब्रह्म अव्यक्तं मायाशक्तित्वात्, यत् मूलं अस्येति सोऽयं संसारवृक्षः ऊर्ध्वमूलः ।'' म्हण्णुं करनुं ''ऊर्ध्वं मूलं यत्तद्विष्णोः परमं पदमस्येति सोऽयमव्यक्तादिस्थावरांतः संसारवृक्ष ऊर्धमूलः ।'' म्हण्णुं अश्वत्थाचो संबंध साक्षात् विष्णु परमात्मालो व्यापक रूपाचो दिशेन निदर्शन केलिलो आसा. अनादि काळापासून अव्याहत चलत आशिल्लो संसाराक संसार–वृक्ष सुद्धां म्हणताचि – ''अव्ययसंसारमायया: अनादिकालप्रवृत्तत्वात् सोऽयं संसारवृक्षः ।''. संत ज्ञानेश्वरालें 'अश्वत्थ' आनि 'संसारवृक्ष' हे शब्दंचि व्याख्या – 'इसका है अर्जुन ! कौतुक । कहनेमें यह अलौकिक । बढता जाता है अधीमुख । यह वृक्ष ॥ जैसे सूर्यकी ऊंची नहीं जानता । उसका रष्मि जाल नीचे फ़ैलता । वैसे ही यह है आश्चर्य दीखता । संसार वृक्ष ॥'' म्हण्णुं केलिलो आसा.

परमात्मालो अव्याकृत अस्तित्व निदर्शन करचें अश्वत्थ  सामान्य जीवांक परमात्मालो माया शक्तीक – ''दैवी ह्येषा गुणमयी मम माया दुरत्यया ।'' आनि अज्ञान आनि इंद्रियांचे प्रभावाक लागून अज्ञात आसता – ''मामेव प्रपद्यंते मायामेतां तरंति ते ॥''. छंदोग्य उपनिषद सांगता किं सत्याचि कामना असत्यान झांकिल्लि आशिल्यान – ''त इमे सत्याः कामा अनृतपिधानास्तेषां सत्यानां सतामनृतमपिधानं यो यो ह्यस्येतः प्रैति न तमिह दर्शनाय लभते ॥'' परमात्मालो शोध साधकाक साध्या जायना.

सर्व सामान्यतः व्याकृत जालिले स्रिश्टीक सुरवात आनि अंत आसून बदलत, रूपांतरित, परिवर्तन जावचि प्रक्रिया दृश्य आसल्यारियी जें आसता तें जशें आसता तशें दीसनासताना विपरीत दिसता. तरियी ते प्रक्रियेचो सुरवाती पासून अंत पर्यंत भौतिक पातळीवयर आभ्यास करचें शक्य आसता. पुण संसारांतु अदृश्य रूपान प्रतिष्ठित आशिल्लो अव्याकृत परमात्मालो अस्तित्वाक सुरवात ना किंवा अंत ना शिवाय बदलचें, रूपांतर,

परिवर्तन जावचें तर संभव नाशिल्ल्यान भौतिक पातळीवयर आभ्यास करचें शक्य ना. जेन्नां आभ्यास करचें शक्य ना तेन्नां परिभाशा शब्दान करचें कशें साध्य जातालें?

कृष्ण सांगता किं अध्यात्मिक अश्वत्थाचें रूपक जावनुं आशिल्ले सनातन निराकार परमात्माक सुरवात किं वा अंत नाशिल्यान – ''न रूपमस्येह तथोपलभ्यते नांतो न चादिर्न च संप्रतिष्ठा ।'' मनुष्यांक तें इंद्रियांचे माध्यमांतल्यान प्राप्त जावचें ना. करन परमात्मा सनातन अश्वत्थ झाडा तरेन प्रतिष्ठित आसल्यारियी प्रगतिशील आसता, मना–पेक्षां तीक्ष्ण आसता. इंद्रियांक तो प्राप्त जायना कारण इंद्रियापेक्षा तो दूर आसता. स्थिर आसल्यारियी धांवतल्यां पेक्षा वेगवान् आसता. तांतूत सर्व प्राण समावेश जावनुं आसून सर्वांलो कार्य सृजन करता. तो हालता, तो हालना. तो दूर आसा, तो लागीं आसा. सर्वां भितर आनि सर्वांले भायर आसता – ''अनेजदेकं मनसो जवीयो नैनद्देवा आप्नुवन्पूर्वमर्षत् । तद्धावतोऽन्यान्येति तिष्ठत्तस्मिन्नपो मातरिष्वा दधाति ॥ तदेजतितन्नैजति तद्दूरे तद्वंतिके । तदंतर्यास्य बाह्यतः ॥'' (ईश उपनिषद). भौतिक संसारांतु मन थंय आसता खंय द्वंद्व आसता. देकून मनुष्य परमात्माले वेग–वेगळे अंश पोळोव शकता पुण परमात्माक पोळोंव शकना. किंबहुना ''द्वैत पाहतां ब्रह्म नसे । ब्रह्म पाहता द्वैत नसे । द्वैताद्वैत भासे । कल्पनेसि ॥ ... अद्वैत कल्पि ते शुद्ध । द्वैत कल्पि ते अशुद्ध । अशुद्ध तेचि प्रसिद्ध । सबळ जाणावी ॥ .. अद्वैतकल्पना प्रकाशे । तेचि क्षणे द्वैत नासे । द्वैत सरिसी निरसे । सबळ कल्पना ॥'' (दासबोध).

हें अगम्य, अनाकलनीय आनि समजचाक कठीण आशिल्यान शास्त्र भौतिक पातळीवयले वस्तु पदार्थ दृश्टांत म्हण्णुं वापरत आसता. परमात्माले अस्तित्वाचो शोध घेवचाक एक असामान्य दिृश्टिकोण आसचाक जाय. जे क्षण तो दिृश्टिकोण प्राप्त जाता तेन्नां ते क्षण परमात्मालो साक्षात्कर उपलब्ध जाता. कृष्ण म्हणता जो मनुष्य मनांतल्यान मोह, इच्छा, कामना, आसक्ति विसर्जन करनुं भुतिक पातळीवयले संसार रूपी आश्वत्थ अनासक्त वैराग्याचे शस्त्रान सम्ळूल नाश करता तो सनातन, अव्यय, अक्षय, पुराण पुरुषाक शरण गेलिल्यान तो सुख–दुःखाचे द्वंद्वांतल्यान मुक्त जावनुं परमात्माले परम पदांतु 'संप्रतिष्ठित' जाता, खंयचान हे संसारांतु परत येवचें आसना – ''अश्वात्थमेनं सुविरूढमूलमसंगशस्त्रेण धृढेन छित्वा । ततः पदं अतत्परिमार्गितव्यं यस्मिन्गाता न निवर्तंते भूयः । तमेव चाद्यं पुरुषं प्रपद्ये यतः प्रवृत्तिः प्रसूता पुराणी ॥ निर्मानमोहा जितसंगदोशा अध्यात्मनित्या विनिवृत्तजामाः । द्वंद्वैर्विमुक्ताः सुखदुःखसंज्ञैः गच्छंत्यमूढाः पदमव्ययं तत् ॥''. 'जो जो कोयी वहां गये । लौट कर नहीं आये । सागरमे मिल गये । स्रीत जैसे ॥ अथवा नमकका कुंजर । डूब गया लवण सागर । कभी न आयेगा लौटकर । उसी भांति ॥ ... वैसे मुझसे हुवा मिलन । ज्ञानाग्नीमें शुद्ध जो अर्जुन । नहीं होग पुनरागमन । उसकी कभी ॥'' (ज्ञानेश्वर).

संसारांतु इंद्रियान प्रभावाक लागून जें दिसता तें परमात्माले सत्य अस्तित्व न्हंय तर बिंबाचे प्रतिबिंब रूपान एक भ्रांत कल्पना आसता. परमात्मालें अस्तित्व जें शोधचाक जाय तें शोधचांतु येना. जें मनुष्य शोधता तें परमात्माले मायाशक्तीक लागून निर्माण जालिलि स्रिश्टी, प्रतिबिंब आसता. परमात्मालें शाश्वत, सनातन परम पदाचो शोध घेवचो आसल्यार मनुष्याक ताणें भौअतिक पातळीवयर इंद्रियाक लागून आशिल्ले आकर्षक वस्तु–पदार्थ, कल्पनेख लागून निर्माण केलिले परमात्माले अधिभौतिक पातळीवयले रूप आकार साधन, माध्यम म्हण्णुं वापरनुं पूजा–पाठ, नाम–स्मरण, जप–तप करनुं नंतर अध्यात्मिक पातळीवयर ध्यान–धारणा करत शरीराचे मरण येवचें पयलें जन्म–मरणाचे संसार चक्रांत् अल्यान मुक्त जावचाक जाय – ''इहैव संतोऽथ विद्मस्तद्वयमम् न चेदवेदिर्महती विनश्टिः । ये तद्विदुरनृतास्ते भवंति अथेत दुःखमेवापियंति ॥''. जो संसारांतले द्वंद्वाचे अपूर्ण जीवानांतल्यान मुक्त जाता तो चित्त शांत, सुस्थिर, श्रद्धेन परमात्माक शरण वचून पूर्णत्व, अमरत्व प्राप्त करता, जो मुक्त जायना तो संसाराचे जन्ममरणाचे चक्रांतु अडखळत दुःखी आसता. परमात्मान निर्माणा केलिले स्रिश्टीचें हे वर्तुळाचि रेष जी पूर्ण बिंदूपासुन सुरवात जाता ती मदें मदें राबत, पडत, उठत तेचि बिंदूक परत मेळनुं पूर्ण जाता.

देकून  कृष्ण सांगता किं जो पर्यंत मनुष्य संसारांतले रूप–आकारान व्याकृत जालिले, प्रति पल बदलचे, परिवर्तन, रूपांतरित जावचे वस्तु–पदार्थ, आवय–बापय, सगे–सोयरे, घर–दार, मान–आभिमान, सुख–दुःख, मोह, कामवासनेचे द्वंद्वांतल्यान मुक्त जायना तो पर्यंत वापरचांतु येवचे सर्व साधन, माध्यम चुकीचे दिशेन वापरचांतु आयिल्यान ताका परमात्मालें अक्षय परम पद प्राप्त जाता खंय परमात्मा स्वयं प्रकाशित आसून ताका प्रकाश दिवचाक सूर्यालो, चंद्रालो वा अग्नीचि उपस्थिति आवश्यक आसचि ना – ''न तद्भासयते सूर्यो न शशांको न पावकः । यद्गत्वा न निवर्तंते तद्धाम परमं मम ॥''.

''अजी! श्वः कहा तो कल । तब तक प्रति पल । रहना नहीं निश्चल । इसका कभी ॥ जैसे है बीतता है क्षण । मेघ बदलता नाना वर्ण । या बिजली न होति संपूर्ण । निमिष एक ॥ .. वैसे ही है इसकी स्थिति । नासता जाता क्षण प्रति । इसीलिये है शुद्धमति । कहते आश्वत्थ ॥ ... जैसे मेघ–मुख एक ओर । सुखाते रहते है सागर । यहा नदीयां दुसरि ओर । भरती रहति ॥ जिससे न चढता न उतरता । सदा एकसा भरा पुरा रहता । किंतु जब तक समयोग होता । मेघ नदीयोंका ॥ वैसे इस वृक्षका होता जान । उस गतीका तर्क नहीं होना । तभी लोगोंका अव्यय कहना । इसको यथार्थ ॥ ... मन्वंतर सरकता मनुके नंतर । बढते जाते अनेक वंश वंश पर । मानो बढता है ईख कांड कांड कर । वैसे ही यह वृक्ष ॥ कलियुगांतमें सूखा छिलका । चार युगोंका झडता इसका । तब चडता है कृत युगका । नूतन मोटा ॥ जैसे वर्ष पर वर्ष बीतता । एक दुसरेका मूल बनता । वैसे दिवस आता और जाता । जानते नहिं ॥ ... या जितनेमें पलक झपकती । करोडो लहरें उठ गिरति । जिससे है दृश्टि अनुभवति । तरंग है नित्य ॥ ... यह संसार वृक्ष ऐसा । नासता बढता सहसा । न देख लोक पागलसा । मानता अव्यय ॥ ... इसे मानता मै सर्वज्ञ । यह है वंदनीय प्राज्ञ । ब्रह्मसिद्धांतका है सूज्ञ । धनुर्धर ॥'' (ज्ञानेश्वर).

कृष्णाले विचार क्रांतिकारी आशिल्यान तो मन इतलेंचि न्हंय तर सर्व जीवन बदलनुं काडता.   देकून तो विश्वासान सांगता किं जेन्नां शाश्वत, सनातन अव्याकृत परमात्मा स्रिश्टिरूपान व्याकृत जाता तेन्नां स्रिश्टींतु आशिल्ले प्रत्येक रूप आकारांतु परमत्मालो अंश प्रस्थापित जालिलो आसता – ''ममैवांशो जीवलोके जीवभूतः सनातनः । मनःषष्ठानींद्रियाणि प्रकृतिस्थानि कर्षति ॥ शरीरं यदवाप्नोति यच्चाप्युत्क्रामतीश्वरः । गृहीत्वैतानि संयाति वायुर्गंधानिवाशयात् ॥ श्रोत्रं चक्षुः स्पर्शनं च रसनं घ्राणमेव च । अधिष्ठाय मनश्चायं विषयानुपसेवते ॥''.

मिथिलेचो राजा जनक अध्यात्म ज्ञान–विज्ञानांतु अग्रेसर आसल्यारियी सामान्य मनुष्याले संशय निरसन जावचाक माध्यम रूपान याज्ञवल्क्य ऋशीक विचारता किं जेन्नां सूर्य आनि चंद्र मावळताचि आनि अग्नि, वाणिबी शांत आसताचि तेन्नां खंयचे प्रकाशाक लागून मनुष्य सृजन जाता. ते प्रश्न्याले उत्तर म्हण्णुं याज्ञवल्क्य सांगता किं जेन्नां सूर्य आनि चंद्र मावळताचि आनि अग्नि, वाणिबी शांत आसताचि तेन्नां स्रिश्टीचे रूप–आकारांतु 'संप्रतिष्ठित' जावनुं आशिल्लो परमात्मालो स्वयंप्रकाशित दिव्यांश मनुष्याक सृजन करता, जाका लागून तो बसता, कर्म करता आनि फ़िरता – ''अस्तमित आदित्ये याज्ञवल्क्य, चंद्रमस्यस्तमिते, शांतेऽग्नौ, शांतायां वाचि किं ज्योतिरेवायं पुरुष इति; अत्मैवास्य ज्योतिर्भवतीति, आत्मनैवायं ज्योतिषास्ते पल्ययते कर्म कुरुते विपल्येतीति ॥''.

स्रिश्टींतु जें कांय घडत आसता, जें कांय घडना तें सर्व परमात्माक लागून घडना. परमात्माले आज्ञे शिवाय स्रिश्टींतले करोडो कोस दूर आशिले ग्रह, नक्षत्रं, वारोबी हाल ना. जेन्नां ते हालनांचि तेन्नां स्रिश्टींतले पान कशें हालतालें ? देकून अध्यात्माचि वयलि पातळी प्राप्त करचाक मनुष्याक सकयल आशिल्ले भौतिक पातळीवयल्यान एक झोंप घेवचि आवश्यकता आसता. जे मनुष्याक पूर्णत्वाचो अनुभव आसता तो सुरवातिक भौतिक पातळीवयर सुरु जालिलो प्रवास अध्यात्मिक पातळिवयर सोंपोवनुं, जीवनांतले अनेक बिंदूंक बिंदूंतु जोडनुं, क्षणांक क्षणाअंतु जोडनुं यश प्राप्त करता, जे तरेन अनेक दिशेन येवचे प्रवाह एकमेकांतु मिसळून एक नदीचे रूपान सागरांतूचि समावेश जाताचि.

जन्म घेतिल्लें शरीर स्थूल आसता पुण इंद्रियांक लागून निर्माण जालिलि वासना सूक्ष्म आसता. देकून भायरचे वस्तु–पदार्थ पळयताना तांतूतले रूप–आकारान आकर्शित जावनुं जें श्रेयस्कर आसा तें करचांतु येना तर जें प्रेय आसा तें वासनेक लागून पंचेंद्रिय आनि मनाचो उपयोग करनुं भोगचांतु येता. जेन्नां काळांतरान शरीर क्षीण, जीर्ण, निरुपयोग जावानुं नाश जाता तेन्नां परमत्मालो अंशरूपान आशिल्लो जीवात्मा आपण्यालें मनांतलें वासना, संस्कार, कर्म, कर्मफ़ल, कर्मेंद्रियं आनि ज्ञानेंद्रिय शरीरांताल्यान घेवनुं एक नवीन रूप–आकारचे शरीर प्राप्त करनुं थंय जीवन जगता, जें तरेन वारो सर्व गंध घेवनु वता – ''शरीरं यदवाप्नोति यच्चाप्युत्क्रामतीश्वरः । गृहीत्वैतानि संयति वायुर्गंधानिवाशयात् ॥''. जें प्रसंगाक लागून जीवात्मा शरीर त्याग करता ताका मृत्यु आनि जें प्रसंगाक लागून जीवात्मा एक नवीन शरीरांतु प्रवेश करता ते प्रसंगाक जन्म म्हणताचि.

जन्म–जन्मांतरान एक शरीरांतल्यान दुसरे शरीरांतु फ़िरत आसचे वर्तुळाक संसार चक्र म्हणताचि. पुण जेन्नां जीवात्मा शरीरांतु आसता किंवा शरीरांतल्यान भायर पडता, गुण स्वबावांचो उपयोग करता तेन्नां अज्ञानि मनुष्य लागींचि भितर आशिल्ले किंवा तागेले बरोबर भायर पडचे परमात्माक पळयना, केवल ज्ञानी मनुष्य आपण्यालें दिव्य द्रिशीन पळयता – ''श्रोत्रं चक्षुः स्पर्शनं च रसनं घ्राणमेव च । अधिश्ठाय मनश्चायं विषयानुपसेवते ॥ उत्क्रामंतं स्थितं वापि युंजानं वा गुणान्विताम् । विमूढा नानुपश्यंति पश्यंति ज्ञानचक्षुषाः ॥''.

उपनिषद सांगता किं जें तरेन परमात्माले अव्याकृत अस्तित्व पूर्ण आसा तें तरेन व्याकृत जालिलि स्रिश्टि आनि स्रिश्टींतले प्रत्येक अवस्तु–पदार्थ, जीव–जंतु सुद्धां पूर्ण आसताचि. आनि अव्याकृत पूर्णांतल्यान व्याकृत स्रिश्टि पूर्ण रूपान निर्माण जालिलि आसल्यारि परमात्मा पूर्णचि आसता – ''ओं पूर्णमदः पूर्णमिदं पूर्णात्पूर्णमुदच्यते । पूर्णस्य पूर्णमादाय पूर्णमेवाशिष्यते ॥''. हे गूढ रहस्य भौतिक पातळीवयले गणीताचे विपरीत आसा, कारण भौतिक पातळीवयलो अनुभव आसता किं पूर्णांतल्यान थोडे जरी काडलें तरी पूर्ण थोडे तरी कमिं जाता. पुण अध्यात्मिक जगांतु भौतिक गणीत लागूं पडना. अध्यात्मिक पातळीवयर जेनां पूर्णांतल्यान थोडे किंवा जास्त काडलें तरी पूर्ण पूर्णचि आसता, केन्नांयी अपूर्ण आसना. जीवात्मा सुद्धां पूर्णचि आसा पुण व्याकृत जालिलि स्रिश्टीचि गति आनि वाटचाल अदृश्य आनि अद्वैत आसल्यारियी ति गति आनि वाटचाल मनुष्यांक इंद्रियांचे प्रभावाक लागून द्वंद्व आनि अपूर्ण दिसता. देकून परमात्माले अंशरूपान अंतरंगांतु आशिल्लो जीवात्मा पूर्ण आसल्यारियी अज्ञानाक लागून आपूण अपूर्ण म्हण्णुं समजत पूर्णत्वाचे दिशेन चलत विकास, प्रगति जावचाक धडपडत जीवन जगत आसता.

अज्ञानि जन इंद्रियांचे प्रभावाक लागून अंधःकाराचि सावळि पडिल्यान चेतना त्रेता, द्वापर युगांतु एक चतुर्थांशान क्षीण जायत अखेरीक कलि युगांतु केवल एक चतुर्थांशान सृजनशील आसता – ''धर्मश्चतुष्पान्मनुजान् कृते समनुवर्तते । स एवान्येष्वधर्मेण व्येति पादेन वर्धता ॥''. भागवत पुराण सांगता किं मनुष्यालि अध्यात्मिक चेतना सत्य युगांतु अत्यत्तुम परमोच्च शिखरा वयर आशिल्लि कारण सत्य युगांतु धर्म, तप, अंतर्बाह्य शुद्धि, करुणा आनि सत्य वचना वयर आधारित आसता. त्रेतायुगांतु धर्म, अंतर्बाह्य शुद्धि, करुणा आनि सत्य वचना वयर आधारित आसता ; द्वापरयुगांतु धर्म करुणा आनि सत्य वचना वयर आनी अखेरचे कलियुगांतु धर्म केवल सत्य वचना वयर आधारित आसता.

कृष्ण सांगता किं जें जन धर्माचे हे गुण स्वभावा वयर आधार घेवनुं जीवन जगताचि ते ऊर्ध्वगतीचे दिशेन वचून श्रेय प्राप्त करताचि आनि जें ताजें विपरीत जगताचि ते अधोगतीक वचून संसारांतु परत परत येताचि. भारतीय संस्कृति भौतिक जग, विकास, प्रगति, सुख समाधान नाकारना, जें नाकारचांतु येता तें भौतिक जग, विकास, प्रगति, सुख, समाधान न्हंय तर केवल तेंचि जीवन अंतिम श्रेय म्हण्णुं मान्य जावचि वैचारिक प्रवृत्ति. संसाराचे द्रिश्टीन भौतिक जीवन योग्य यम नियमानुसार जगचें अपेक्षित आशिल्यान शास्त्रांतु धर्म, अर्थ, काम आनि मोक्ष हे जीवनाचे पुरुषार्थ दाखोवनुं अर्थ अनि काम जर धर्माचे पातळीवयर साधले तर मोक्ष निश्चित प्राप्त जाता म्हण्णुं सांगिल्लें आसा.

पुण सर्व सामान्य जनांले मनावयर अज्ञानाचे पांघरूण आसून ज्ञान–विज्ञान संपादन केलिलें नाशिल्यान तांका पुरुषार्थांतलें गूढ रहस्य अज्ञात आसता. अशुद्ध प्रवृत्तीचे जनांक परमात्मालें सनातन रूपमैश्वर्य प्राप्त जावचाक अधिकार आसचो ना. पुण जे योग साधनेन मन वयर नियंत्रण दवरनुं मनाचे पेलतडेन वचून परमात्मालें ज्ञान–विज्ञान प्राप्त करताचि तांका तें अज्ञात रहस्य ज्ञात जावनुं भितर अंतर्मांतु आशिल्लो परमात्मा पलयताचि – ''यतंतो योगिनश्चैव पश्यंत्यात्मन्यवस्थितम् । यतंतोऽप्यकृतात्मनो नैनं पश्यंत्यचेतसः ॥''.

परमात्मा म्हळयार एक साधारण व्यक्ति न्हंय तर एक असामान्य शक्ति जी सूर्यांतु प्रस्थापित जावनुं चंद्राक तेज आनि अग्नीक ऊर्जा दिता, पृथ्वीक धारण, स्रिश्टि सृजन, सस्य–वनस्पतींक पोषण दिता, जठरांतु वैश्वानर अग्निरूपान जातीन सेवन केलिलें अन्न पचयता – ''यदादित्यगतं तेजो जगद्भासयतेऽखिलम् । यच्चंद्रमसि यच्चाग्नौ तत्तेजो विद्धि मामकम् ॥ गामाविश्य च भूतानि धारयाम्यहमोजसा । पुष्णामि चौषधीः सर्वाः सोमो भूत्वा रसात्मकः । अहं वैश्वानरो भूत्वा प्राणिनां देहमाश्रितः । प्राणापानसमायुक्तः पचाम्यन्नं चतुर्विधम् ॥''. सर्वांले अंतरात्मांतु संप्रतिष्ठित जावनुं स्मरण–विस्मरण, ज्ञान आनि अज्ञान, वेद आनि वेदांताचो कर्ता आनि ज्ञान विज्ञानान परिपूर्ण आशिल्लो पतमाताचि आसता – ''सर्वस्य चाहं हृदि संन्निविष्ठो मतः स्मृतिर्ज्ञानपमोहनम् । वेदेश्च सर्वैरहमेव वेद्यो वेदांतकृद्वेदादिदेव चाहम् ॥''.

वेद कळांतल्यान अव्याकृत परमात्मा आनि व्याकृत जालिलें जीवात्मांलो आप–आपसांतलो संबंध एक झाडवयर बशिल्ले दोन सांकेतिक पक्षिचे रूपान समजावचांतु आयाल्यां. नंतर कठ उपनिषदांतु सांगचांतु आयालयां किं आव्याकृत परम सत्य जें व्याकृत रूपान अभिव्यक्त जालिलें स्रिश्टि पेक्षा श्रेष्ठ आसून भितर अंतःकरणांतु एकचि झाडावयर प्रकाश–सावळी तरेन दोन पक्षीलें रूपान वावुरत आसताचि – ''ऋतं पिबंतौ सुकृतस्य लोके गुहां प्रविश्टौ परमे परार्धे । छायातपौ ब्रह्मविदो वदंति ...॥'' आनि भगवद् गीतेंतु – ''द्वामिमौ पुरुषौ लोके क्षरश्चाक्षर एव च । क्षरः सर्वानि भूतानि कूटस्थोऽक्शर उच्यते ॥'' म्हण्णुं तेंचि रूपक परमात्मा अक्षर जीवात्मा म्हण्णुं सांगचांतु आयलें. क्षर म्हळयार संसारांतु प्रतिक्षण बदलत, परिवर्तन, रूपांतर, क्षीण जावचें अशाश्वत, नाशवंत, स्थूल, दृष्य शरीर आनि ते क्षर शरीरांतु सूक्ष्म रूपान अविनाशी, शाश्वत, अदृष्य आशिल्लो जीवात्मा अक्षर आसता. हे दोन दृश्य, ज्ञात क्षर आनि अदृश्य, अज्ञात अक्षराचे पेलतडेन एक शक्ति आसता जी ते दोन अस्तित्वा पेक्षा भिन्न आनि श्रेष्ठ आसून तीन लोकांतु पुरुषोत्तम म्हण्णुं विख्यात आसता – ''उत्तमः पुरुषस्त्वन्यः परामात्मेत्युदाहृतः । यो लोकत्रयमाविश्य बिभर्त्यव्यय ईश्वरः ॥ यस्मात् क्षरमतीतोऽहमक्शरादपि चोत्तमः । अतोऽस्ति लोके वेदे च प्रथितः पुरुषोत्तमः ॥''.

जे तरेन सागर प्रशस्त, प्रगल्भ, सखोल आनि शांत आसता ते तरेन परमात्मालें पुरुषोत्तम तत्व प्रत्येकांले अंतरंगांतु प्रशस्त, प्रगल्भ, सखोल आनि शांत पसरिलें आसता. पुण जे तरेन सागरांतले तरंग प्रक्षुब्ध जालिल्यान सागर प्रशस्त, प्रगल्भ, सखोल आनि शांत आशिल्लें जाणवना ते तरेन संसारांतले तापत्रयांक लागून प्रक्षुब्ध जालिलें अंतरंगांतु ज्ञान–विज्ञानान प्रशस्त, प्रगल्भ, सखोल आनि शांत जावनुं आशिल्लो परमात्मा जाणवना.

जन्म–जन्मांतरान सुद्धां जर परमात्मा मेळना तर तो दूर आसा म्हण्णुं न्हंय तर मनुष्य परमात्मा पासून दूर गेलिलो आसा. देकून परमात्मा भितर अंतःकरणांतु असा म्हुंउं शास्त्र सांगता आसता तरियी तो परमात्मालो शोध भितर म्न्हंय तर भायर श्ध्धत आसा. पुण परमात्मा भितर आसा म्हळ्ळें म्हण्णुं तो दिसचो ना जर मनुष्यान आपण्याले प्रक्षुब्ध जालिलें मन इंद्रियां वयर नियंत्रण दवरनुं शांत करनुं बुद्धि सुद्धां स्थिर केलें शिवाय अंतःकरणांतु आसिल्लो परमात्मालो साक्षात्कार जावचो ना.

कृष्ण म्हणता किं जो हें परम पुरुषोत्तम तत्व जाणता तागेलें अज्ञान दूर जावनुं परमात्माक सर्व भावनेन भजता तो परम पद निश्चित प्राप्त करतालो – ''यो मामेवमसंमूढो जानाति पुरुषोत्तमम् । स सर्वविद् भजति मां सर्वभावेन भारत ॥''. 'सर्वभावेन' म्हळ्यार अहंकार, विशयवासना समूळ उपटून काडनुं निश्कलंक, निर्मळ, नितळ जालिलें मनाचो प्रवाह स्थिर, एकाग्र आनि अंतःकरण उघडें दवरनुं परम तत्वाचो अनाहत नाद श्रवण,

मनन, चिंतन, ध्यान, धारणा शब्देन आत्मसात् करनुं तन–मनान परमात्माक शरण वचून, सर्व भावना समर्पित जालिल्यान परमात्मालो साक्षात्कार भितर प्रतिबिंब जावचें शक्य आसता. जेन्नां मनुष्य परमात्माक शरण वता, नतमस्तक जाता, नमस्कार करता, दोन्नीं हात पसरायता तेन्नांचि पसरिले हात आपण्याले हातांतु धरनुं संसारांतले सुख–दु:खांतल्यान मनुष्याक मुक्त करनुं आपण्याले परम पदांतु परमात्मा आश्रय दिता.

''अब जो अन्यथा ज्ञानकी । खो जाती है वह निद्राकी । अज्ञानस्थितीमें ॥ वह अज्ञान जब ज्ञानमे डूबता । यथा वह ज्ञान भी कीर्तिमुख होता । जैसे काष्ट जलाकर स्वयं जलता । वन्ही आप ॥ ऐसे वह अज्ञान ले गया ज्ञान । परतत्व दे गया आप अर्जुन । जाननेके बिना रह ऐसे ज्ञान । केवल मात्र ॥ .. किरण अथवा होता मृगजल । उसके भिन्न जैसे सूर्यमंडल । वैसे ही भिन्न यह अति बहुल । उत्तम पुरुष ॥ जैसे काष्टमें काष्टसे भिन्न । भर रहता अग्नि अर्जुन । वैसे क्षर–अक्षरसे भिन्न ॥ रहता है यह ॥ ... वैसे है मौनसे ही बोलना । न जाननेसे वहां जानता । तथा न होनेसे ही है होना । वह तत्व ॥ सोऽहं भाव है अस्त होतस् । कहनेवाला कोयी न होता । दृश्टत्व सह जाना है प्सर्थ । जाना दृश्र्य भी ॥ ... नादसे जो सुनना नाद । स्वादसे है चखना स्वाद । अनुभवना जो आनंद । आनंदसे ही ॥ सुख ही जहां सुख पाता । तेजसे है तेज मिलता । शून्य भी है विश्राम । जहां लेता विशांति ॥ ... आपनेसे हि जो अर्जुन । प्रकाशता आप है जान । क्या कहूं उसके समान । नही अन्य ॥ वह हूं मै निरुपाधिक । क्षराक्षरोत्तम हूं एक । इसीलिये वेद और लोक । कहते पुरुषोत्तम ॥ '' (ज्ञानेश्वर).

जें गूढांतु गूढ रहस्य – ''इति गुह्यतमं शास्त्रमिदयुक्तं मयाऽऽनघ । एतद्बुद्ध्वा बुद्धिमान् स्यात्कृतकृत्यश्च भारत ॥'' म्हण्णुं अर्जुनाक निरूपण करचांतु आयलें तें यादवकुळांतु देवकीक पुत्ररूपान जन्म घेतिले कृष्णान न्हंय तर घोर अंगीरसाले – 'अक्षितमसि अच्युतमसि प्राणसंश्रितमसि' हे शिखवणेक लागून प्रज्ञावान् जालिलो ज्ञानी पुरुष, तील लोकांतु ख्याति मेळिलो पुरुषोत्तमान सांगेल्लिं परम वचन जावनुं आसा.

कृष्णान अर्जुनाले अंत:करणांतु मंदावलेलि ज्योत प्रज्वलित करचो प्रयत्न केलिलो आसा. पोळोवचाक जाय खंयचे तरेन अर्जुनाले शुद्ध, पवित्र जालिले मन प्रज्वलित जावनुं अंतकरणांतु पसरिले प्रकाशाक लागून परमात्मालो साक्षात्कार जातालो. कारण जो हो मार्ग स्वीकारता ते मर्गावयर खंयचेयि अडथळे येवचे नांचि, खंयचेंयि कार्य असफ़ल जावचें ना, काडिलो पाय व्यर्थ जावचो ना, थोडो प्रयत्न सुद्धां साकार जावनुं व्होड संकटांतल्यान मुक्त जातालो. परमात्माक शरण गेलिलो मनुष्य मनुष्य जावनुं उरना, तो दिव्य द्रिश्टि प्राप्त जालिलो देव जाता. कृष्णालो उद्देश स्वत:चें कर्तुत्वाचे महत्व सांगचें नाशिल्लें किंवा व्होडपण दाखोवचें नाशिल्लें, अध्यात्माचे ज्ञान–विज्ञान निरूपण करचें नाशिल्लें तर अर्जुनाले मनांतलो मोह, संदेह, संशय संपूर्ण निरसन, नाश करनुं थंय विश्वास न्हयं तर श्रद्धा प्रस्थापित करनुं परमात्मान पयलें सूर्याक दिलिलो सनतान अव्यय योगाचें अद्यात्मिक ऐश्वर्य दिवचें आशिल्लें. अर्जुन पूर्णतरेन श्रद्धावान् जालो तर तो स्वत:चे इंद्रियांचे पेलतडेन वचून निर्मन, अ–मन, विचाररहित जावनुं नि:श्चित परमात्माले ओंकाराचे स्पंदन, अनाहत नाद आयकून जागरूक, प्रबुद्ध अवस्थेंतु जगतालो.

०००००



## *अध्याय सोळावो*
## *दैवासुरसंपद्विभाग योग*

परब्रह्माले अव्याकृत अविभक्त अस्तित्व जेन्नां स्रिश्टि रूपान व्याकृत विभक्त जालि तेन्नां ती स्रिश्टि श्री विष्णूले करंगळींतल्यान जन्म घेतिल्लो पुण्यश्लोक गंगा नदी तरेन  निर्मल, शुद्ध, पवित्र आशिल्लि. पुण काळांतरान जें तरेन मनुष्याले दोशांक लागून गंगा प्रवाह दूशित जालि तें तरेन मनुष्यालें गुण स्वभावांक आनि अज्ञानाक लागून व्याकृत जालिलि स्रिश्टि अशुद्ध, अपवित्र जालि. किंबहुना प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाक लागून मनुष्यालिं कर्म करचांतु येताचि – ''प्रकृतेः क्रियमाणानि गुणैः कर्माणि सर्वशः ।'' म्हण्णुं कृष्णान पयलेंचि सांगिल्लें आसा.

वास्तविक मनुष्य स्रिश्टींतु स्रिश्टीचे रूपान व्याकृत जालिले रूप आकार, वस्तुअ पदार्थ गुण स्वभव आनि इंद्रियांचे प्रभावाक लागून पळयता. देकून मनुष्याक अध्यात्मिक प्रभाव समजचें पयलें भौतिक प्रभाव जास्त जाणवता. देकून स्रिश्टींतु अव्याकृत परमात्मा आसा किं ना, आसल्यार संसारांतु तो खंयचे तरेन प्रभावित आसता म्हण्णुं शोध घेवचें पयलें व्याकृत जावनुं निर्माण जालिले स्रिश्टींतु खंयचे तरेन गुण स्वभाव प्रभावित करताचि म्हण्णुं शोध घेवचें जास्त उपयोयोजक आसतालें. पुण अव्याकृत परमात्मालो अनुभव आपण्याले गुण स्वभाव आनि इंद्रियांचे माध्यमांतल्यान पोळोवचि तागेलि धडपड अवास्तव आसता.

अव्याकृत परमात्मालो अनुभव घेताना गुण स्वभाव आनि इंद्रियांचे महत्व सांगताना श्री शंकराचार्य म्हणताचि किं जर मनुष्याले गुण स्वभाव शास्त्र संमत ज्ञान–विज्ञानान प्रभावित जाले तर तांगेलि ऊर्जा, शक्ति तांका ऊर्ध्वगतीचे दिशेन व्हरनु दिव्य संपदा प्राप्त जातालि. जर मनुष्याले गुण स्वभाव इंद्रियांन प्रभावित जाले तर तांगेलि उर्जा, शक्ति तांका अधोगतीचे दिशेन व्हरनु असुरी संपदा प्राप्त जातालि – ''शास्त्रजनितज्ञानकर्मभाविता द्योतनाद्देवा भवंति । त एव स्वाभाविक प्रत्यक्षानुमानजनिता दृश्टप्रयोजनकर्मज्ञानभाविता असुराः ॥''. स्रिश्टीचो विकास अचेतन पासून चेतनेचे दिशेन जायत आशिल्यान प्रत्येक जीवाक असुरांले तामसिक गुण आनि पशु स्वभावान उण्यान उणें अधोगतीचे दिशेन आनि देवांले सात्विक गुण दिव्य स्वभावान जास्तन् जास्त ऊर्ध्वगतीचे दिशेन प्रभावित जावनुं पायरी पायरीन नित्य निरंतर संघर्ष करत आपण्यालि अभिवृद्धि करनुं घेवचें अपेक्षित आसता. पुण संसारांतु जन्माक आयिले प्रत्येक जीवांलो पशु स्वभाव पूर्ण तरेन विसर्जन जालिलो नाशिल्यान आनि सात्विक गुण स्वभावन अजून पूर्ण प्रभावित जालिले नाशिल्यान सत्व–रज–तम गुण आनि इंद्रियांचे मिश्र प्रभावाक लागून देव आनि असुरांले मदले मनुष्य रूपांतु वावुरचे दिसचांतु येता. पशु तरेन जीवन जगचे जनांक नरकाचें उघडिले द्वारांतल्यान वचताना स्वर्गाचें उघडिलें द्वार दीसना. देकून संसारांतु इंद्रियसुखा खातिर असुरालें तामसिक गुण स्वभावान प्रभावित जालिले जास्त दिसताचि आनि परमात्मालें आकर्षणान देवांले सात्विक गुण स्वभावान प्रभावित जालिले कमिं दिसताचि.

सर्व साधारणतः संसारांतु मनुष्य रज–तम गुण स्वभावान प्रभावित जावनुं स्वतः खातिर, बायल–चेरडूंव, आवय–बापयले खातिर धन–ऐश्वर्य कमोवनुं, घर बांदून कुळ–समाज–राष्ट्रांतु स्वतः सुरक्षित समजता. मनुष्याक धन–ऐश्वर्य जाय, आप्त–बांधव जाय, निर्णय स्वतः घेवचें स्वातंत्र्य जाय. स्वातंत्र्य म्हळ्यार स्वतः स्वतःचे

पायावयर उभ राबचें; स्वातंत्र्य म्हळयार आपण्याले निर्णय स्वतः घेवचें आसता. पुण स्वातंत्र्याक लागून येवचि जवाबदारी नाका. जवाबदारीन मनुष्य घाबरता. देकून जेन्नां बायल–चेरडूंव, आवय–बपय कुळ–समज–राष्ट्रां पासून अपेक्षित सुख–समाधान मेळना तेन्नां तका परमात्मालें आकर्षण तीव्र जाता. परमात्मा पासून विभक्त आसाल्यार परमात्मांतु आशिल्लो विश्वास श्रद्धेंतु रूपांतर जावचाक अंतरमनांतलि संवेदना पूर्णतरेन सतेज करनुं सभक्त जावचाक परमात्माक आधारस्तंभ आनि आश्रय स्थान म्हण्णुं स्वीकारता. नाम–स्मरण, भजन, संकीर्तन करनुं दुःख निवारण जावचाक आनि सुखाचे आशीर्वचन प्राप्त जावचाक तो देवालि याचना करता. एक देवाले कडचान जर ताका दुःखाचे निवारण किंवा सुखाचे आशीर्वचन प्राप्त जालें ना तर तो अन्य देवांक शरण वता. दुःख निवारण, सुखाचे आशीर्वचन प्राप्त जाल्यार, जें मेळ्यां तें प्राप्त जालिल्यान समाधान माननुं परमात्माक धन्यवाद, अभिवादन, कृतज्ञता प्रदर्शित करना. देवाले कडचान सांत्वन मेळिले नाशिल्लो मनुष्य वैतागान संसार सोडनुं वैराग्य घेवचि भाशा उलयता. पुण जाणचाक जाय किं पाय दुखल्यार पाय कापून उपचार जायना; माथें दुखल्यार माथें कापून उपचार जायना. पायाक, माथ्याक दूख कित्याक जाता, ती दूख दूर खंयचे तरेन निरसन करचें हे विशय विचार केलिल्यान उपचार जाता.

परमात्मा अव्याकृत निराकार आशिल्यान तो मनुष्याले कल्पनेचे पेलतडेन आसता. देकून मनुष्य कल्पनेन निराकार परमात्माक साकार रूप दीवनुं विवेक बुद्धीक सरळ मान्य जावचे तसले विकल्प शोधता. ''कल्पून निर्मिले मंत्र । देव तो कल्पना मात्र । देव नाहीं स्वतंत्र । मंत्राधीन ॥ बोलणें विवेका आणावें । आंधळें पाउलीं वोळखावें । विचक्षणें ॥''(दासबोध).

देकून लक्ष्य केवल परमात्मा आसल्यारियी साधक निराकार परमात्मालो साक्षात्कार जावचाक स्रिश्टींतु जें कांय ऐश्वर्य, धर्म, यश, कीर्ति, ज्ञान–विज्ञान वैराग्यान प्रभावित आनि प्रस्थापित जालिले सूक्ष्म किंवा स्थूल जन–जनांवर, वस्तु–पदार्थ आसताचि ते सर्व परमात्माले उर्जास्थान म्हण्णुं माननुं तांका आपण्याले अध्यात्माचे यात्रेंतु माध्यम म्हण्णुं वापरता. ''प्रगट तें जाणावें असार । आणी गुप्त तें जाणावें सार । गुरुमुखें हा विचार । उमजो लागें ॥ जें उमजेना तें उमजावे । जे दिसेना तें पाहावे । जें कळेना तें जाणावे । विवेकबळें ॥''(दासबोध).

वैदिक धर्माचे जन आप–आपण्याले गुण स्वभावाक लागून प्राधान्यतेन ब्र्ह्मा–विष्णु–महेश्वर, सरस्वति–लक्ष्मि–पार्वतिले रूपान, बौध संप्रदायेचे गौतम बुद्धाले रूपान, जैन संप्रदायेचे महाविराले रूपान, क्रिस्त संप्रदायेचे जेसु क्रिस्ताले रूपान, इस्लाम संप्रदायेचे मुहम्मदाक प्रेषित रूपान पूजताचि. मंत्र म्हळयार मानुष्यान मनान विचार करनुं नित्य मनन करचे खातिर वापरचांतु येवचें एक प्रमुख आनि शक्तिशाली शाब्दिक माध्यम आसून परमात्माक रूप, आकार दिलिले प्रतिमा, प्रतिक जनांले गुण स्वभाव, देश प्रदेश आनि काळ–समयाक अनुसरून वापरचांतु येवचे स्थूल माध्यम जावनुं आसाचि. अथर्व वेदांतु ''जनं बिभ्रति बहुधा विवाचसं नानाधर्माणं पृथिवी यथौकसम् । सहस्र धारा द्रविणस्य मे फ़ुहां धृवेव धेनुर् अनस्फ़ुरंती ॥''. जगांतु जितले मनुष्य आसताचि तितले देव माध्यम रूपान आसताचि. ''पृथ्वि नव्हे आप नव्हे । तेज नव्हे वायु नव्हे । वर्णव्यक्त ऐसे नव्हे । व्यक्त तें ॥ तयास म्हणावे देव । वरकड लोकांचा स्वभाव । जितुके गांवे तितुके देव । जना कारणें ॥'', ''पावावया भगवंतातें । नाना पंथ नाना मतें । तया देवाचें स्वरूप तें । कैसें आहे ॥ बहुत देवा सृश्टीवरी । त्यांचि गणना कोण करी । येक देव कोणेंपरी ठायी पडेना ॥... देव यक्षिणी कात्यायणी । चामुंडा जखिणी मानाविणी । नाना शक्ति नाना स्थानिं । देश परत्वे ॥ पुरुषनामें कित्येक । देव आसती अनेक । भूतें देवतें नपुंसक । नामें बोलिजेति ॥ देव देवता देवतें भूतें । पृथ्विमध्यें असंख्यतें । परंतु या समस्तातांते । वायोस्वरूप बोलिजे ॥'' (दासबोध).

कृष्ण दुःखाचें निवारण आनि सुखाचि प्राप्ति जावचाक गुण स्वभावाक अनुरूप आवश्यक आशिल्ले उपाय, विकल्प दाखयता. अध्यात्माचे प्रवासांतु त्रिगुणात्मक प्रकृतीचे पेलाद्डेन वचूना मार्ग चलचें श्रेयस्कर आसल्यारियी जो पर्यंत मनुष्य संसारांतु आपण्याले स्थूल शरीरांतु वावुरत आसता तो पर्यंत ताका आपण्याले गुण

स्वभावाक लागून कर्म करचें आसता. अंत:करणांतु आशिल्ले त्रिगुणांचे प्राभावचे पेलतडेन असचे परमात्मालें अस्तित्व ध्यानांतु दवरनुं मनुष्यान गुण स्वभावाक लागून परमात्मालि शक्ति वापरचाक अवकास दिवचें हें अध्यात्म जीवनाचें पयलें पावूल आसता.

सर्व साधारणत: सात्विक गुण स्वभावाचो मनुष्य आपण्यालो प्रवास आपण्याले भितर अंतरंगांतु सुप्तावस्थेंतु आशिल्लि ऊर्जा, शक्ति, संपदा सृजन करनुं भितर गुंजन जावचो ओंकाराचो अनाहत नाद श्रवण, मनन, चिंतन करनुं परमात्माले सूक्ष्म निराकार अस्तित्वाचें ध्यान धारणा करता. राजसिक गुण स्वभावाचो मनुष्य आपण्याले गुण स्वभावाक अनुरूप परमात्मालो आकार येवजून ब्रह्मदेव स्रिश्टि कर्ता, विष्णुदेव पालनकर्ता आनि महादेव संहारक म्हण्णुं स्थूल प्रतिमा, प्रतीक माध्यम म्हण्णुं वापरनुं आपण्यालो प्रवास पूजा-पाठ, जप-तप, नामस्मरण-संकीर्तन करनुं सुरु करता. तामसिक गुण स्वभावाचो मनुष्य अज्ञानाचे अंध:काराक लागून दिशा समजत नासताना आपण्यालो प्रवास सुरु करत नासताना भ्रमांतु वावुरत नरकाचि यातना भोगत आसता.

अभय, इंद्रियांवयर नियंत्रण, अंत:करणाचि शुद्धि, सरलता, दान, ज्ञान, स्वाध्याय, तप आनि ज्ञानयोगांतु धृढ स्थिति हे संसारांतले तापत्रयांतल्यान सुटचाक आनि परमात्माले साक्षात्कारा खातिर मान्य जालिले दैवी गुण संपदा म्हण्णुं कृष्ण विस्तारान निरूपण करता = ''अभयं सत्वसंशुद्धिः ज्ञानयोग व्यवस्थितिः । दानं दमश्च यज्ञश्च स्वाध्यायस्तप आर्जवम् ॥ अहिंसा सत्यमक्रोधस्त्यागः शांतिरपैशुनम् । दया भूतेष्वलोलुप्त्वं मार्दवं ह्रीरचापलम् ॥''

'अभय' म्हळयार संकट मुखार आयल्यार आपण्याले सर्व प्राण पणाक लावनुं जीव वांचोवचाक संघर्ष करचो मनुष्य न्हंय. कारण संघर्ष करताना तागेले काळजांतु भय आसता. सर्व सामान्य मनुष्याक इंद्रियांचे मुखांतर प्राप्त जावचें जीवन ज्ञात आसता आनि इंद्रियांचे मुखांतर प्राप्त जायत नाशिल्यान मृत्यु ज्ञात आसता. पुण मृत्यु अज्ञात आसल्यारियी निश्चित आशिल्यान तो मृत्यु येतालो म्हण्णुं तो तितलो भियेना जितलो तो शरीर नाश जावनुं मृत्यु आयिल्यान वर्तमान जीवन आनि जीवनांतु कमयिले धन-ऐश्वर्य आनि आप्त-बांधव, सगे-सोयर्यांलो सहवासाचो भोग घेवचाक अवसर मेळचो ना म्हण्णुं तो भीत भीत जीवंत आसतानाचि सहस्र पटीन मरत आसता. पुण जो मनुष्य युद्धांतु मरण अपेक्षित आनि संभव आसता म्हण्णुं जाणून जो रणांगणा वयर योद्ध करचाक उभो आसता तागेले मनाचि स्थिति, वृत्ति आनि गुण अभय, निर्भय आसता. कारण तो जानता किं जो पर्यंत अशाश्वत शरीरांतु शाश्वत आत्मा आसता तो पर्यंत तें शरीर कमयिलिइ अशाश्वत धन-संपत्ती, प्राप्त जालिले आप्त-बांधव, सगे-सोयर्यांलो सहवास अनुभवता. जे क्षण वर्तमान शरीरांतल्यान आत्मा भायर पडता ते क्षण तें वर्तमान शरीरान कमयिलें धन-संपत्ती, प्राप्त जालिले आप्त-बांधव, सगे-सोयर्यांलो सहवास अनुभवचो ना. देकून जो मनुष्य जीवन आनि मरणाचें गूढ रहस्य जाणता, शरीर आशिल्यान किंवा शरीर नाश जालिल्यान चिंत करना तो निर्भय आसून 'अभय' तागेलि वृत्ति आसता. तो मनुष्य नित्य निरंतर, प्रति क्शण, प्रति पल अभय आसून सत्याचे साधनेंतु नि:संकोच आसता.

'सत्वसंशुद्धि' ही अस्तित्व शुद्ध पवित्र दवरचे खातिर मन आनि अंत:करण शुद्ध दवरचि मानसिक प्रवृत्ति आसता, केवल भायरचें शरीर शुद्ध दवरचि प्रक्रिया न्हंय. परमात्मालो साक्षात्कार जावचाक भायरचें शरीर शुद्ध न्हंय तर इंद्रियां वयर संयम दवरनुं स्वाध्याय, यज्ञ आनि दान करनुं मन आनि अंत:करण एक जन्मांतु न्हंय तर जन्म-जन्मांतरान शुद्ध, पवित्र, ज्ञानमय, चैतन्यमय आसचाक जाय. जाका लागून योग्य काळ-समय आयलो किं परमात्मालो साक्षात्कर तक्षण वीज झळकले तरेन दोळ्याचि पापण्यो उघड जांक करचे पयलें जातालो.

'ज्ञानयोगव्यवस्थिति' म्हळयार मनुष्यान ध्यान-धारणा तीक्ष्ण आनि संवेदनशील करनुं बसताना, उठताना, जेवताना, निदताना संपूर्ण ज्ञानमय, चैतन्यमय अवस्थेम्तु आसचें. ''तथा सत्वशुद्धि जो कहलाता । ऐसे लक्षणोसे है जाना जाता । जो न जलता या नहीं बुझता । राखके जैसे ॥ या शुक्लमें जो न बढता । या कृष्णमें जो न घटता । वैसे सूक्ष्म होके रहता । चंद्रमा जैसे ॥ .. इंद्रिय समूहसे जो दर्शित । उचित अथवा हो अनुचित । देख

चित्त नहीं होता स्पंदित । किंचितमात्र ॥ वैसे ही सत्वरूपसे पार्थ । अनन्य हो रहता सतत । सत्व शुद्धि कहता श्रीनाथ । असुरारि जो ॥'' म्हण्णुं ज्ञानेश्वरांनि केलिलें आसा.

'दानं' म्हळयार पाप क्षलन आनि पुण्य प्राप्ती खातिर धन–धान्य गरीब जनांक दिवचें कर्माक लागून सीमित ना तर कसलेंयी प्रतिफ़लाचि, पुण्य किंवा स्वर्गसुखाचि, अपेक्ष्सा करत नासताना जें आपण्यालें लागीं ज्ञान, सामर्थ्य, संपत्ती किंवा कर्म करचि क्षमता आसता तें यज्ञ–कर्म म्हन्नुं करनुं अनासक्त भवनेन लोककल्याणा खातिर यज्ञ–कर्माचें फ़ल, फ़ूल किंवा फ़ुलाचि पाकळी म्हण्णुं व्यापक अर्थना दिवचें आसता. वेद वचन आसा किं जो मनुष्य सक्षम आसून दान दीना ताका जीवनांतु सुख प्राप्त जायना. धन आयज एक मनुष्यालें लागिं आसल्यार दुसरें दिवस वेगळे मनुष्या लागिं आसता – ''पूर्णयादन्नाधमानाय नव्यान् दधीयांसमनु पश्येत् पंथान् । ओ हि वर्तंते रथ्येव चक्राऽन्यमन्युप तिष्ठंत राय: ॥''. धनिकान निर्धनाक मदत करचाक जाय जो लांब समय पासून याचना करत आसता. धन वांटील्यान व्यर्थ वचना, वांटिल्ले धन सहस्र पटीन वाढता. घर आयिलो याचकाक जो अन्न दिता ताका ऐश्वर्य प्राप्त जाता – ''स इद्भोजो यो गृहवे ददात्यन्नकामाया चरते कृषाय ।''.

प्रत्येक क्रियेचि प्रतिक्रिया समसमान आसता. मनुष्यालो इच्छे तरेन ताका फ़ल प्राप्त जाता. प्राप्ति करांतु सवलत मेळका म्हण्णुं जे दान दिवचांतु येता तें दान दिलिल्यान मनुष्याक प्राप्ति करांतु सवलत मेळोवनुं दिता, पुण्य न्हंय. जें दान लोक कल्याणा खातिर दिवचांतु येता तें सहस्रपटीन पुण्य फ़ल प्राप्त करनुं दिता. केलिलो कर्माचे फ़ल भोगालो नंतर तो मनुष्य हे संसरांतु परत येता. पुण जो मनुष्य कसलेयि इच्छा करना, कसलोयी इच्छा ना, कोण इच्छे पासून मुक्त जालिलो आसा, कोणांलि इच्छा पूर्ण जालिलि आसा, किंवा कोणांलि इच्छा आत्मज्ञान आसता ताका मरण ना, तो ब्रह्ममय जालिल्यान ब्रह्मस्वरूपांतु मिसळता – ''तदेव सक्त: सह कर्मणैति लिंगं मनो यत्र निषक्तमस्य । प्राध्यांतं कर्मणस्तस्य यत्किंचेह करोत्ययम् । तस्माल्लोकात्पुनरैत्यस्मै लोकाय कर्मणो ॥ इति नु कामयमान:; अथाकानयमान: – योऽकामो निष्काम आप्तकाम आत्मकामो न तस्य प्राणा उत्क्रामंति, ब्रह्मैव सन्ब्रह्माप्येति ॥''.

दान, दम, यज्ञकर्म, स्वाध्याय, तप, समर्पण हे शब्द वापरताना कृष्ण सांगता किं इंद्रियांक शत्रु तरेन दाबून दवरल्यार ते प्रतिकूल जावनुं मनांतु अशांति निर्माण करनुं जीवनांतु नरक यातना प्राप्त करनुं दिताचि. इंद्रियांक मित्र म्हण्णुं उपयोजनेंतु हाडल्यार ते अनुकूल जावनुं मनांतु शांति, समाधान निर्माण करनुं जीवनांतु स्वर्ग सुख प्राप्त करनुं दिताचि. जो मनुष्य मनांतु इच्च्या, कामना, अपेक्षा दवरनुं अपून करम करतां, आपूण दान दितां म्हण्णुं अहंकारान, तिरस्कारान, द्वेश बुद्धीन कर्म करता, दान दिता, तें केलिलें कर्म, दिलिलें दान मरुबूमींतु पेरिलो बींय तरेन निश्फ़ल जाता. ताजे विपरीत इंद्रियांवयर संयम दवरनुं, मनांतु कसलेयि इच्च्या, कामना, अपेक्षा नासताना, दैवी भावनेन प्रभावित जावनुं, प्रेमान दिलिलें दान, केलिलें कर्म तप, यज्ञकर्म, भक्तींतु परिवर्तन जावनुं मनुष्याक ऊर्ध्वगतीचे प्रवासांतु आधारस्तंभ जाता.

उपनिषदांतु ब्रह्म प्रजापतीन देव, मनुश्य आनि असुरांक 'दा' हे एक अक्षरान दिलिलो उपदेश ते आप–आपण्यालो गुणांक लागून संयम, दान आनि दया म्हण्णुं समजताचि. श्री शंकराचार्यांलें मतान बापूय आपण्यालें पुतांक दुश्ट प्रवृत्ती पासून परावृत्त करचाक उपदेश करता. आनि जर एक व्यक्तीक आपण्यालें दायित्व समजता तर तो दुश्ट स्वभावा पासून दूर आसचाक प्रयत्न करता. आचार्यांलें हे मत जें ताणिं नंतर सांगल्या ताका लागून महत्वाचें आसा. आचार्य म्हणताचि किं मनुष्यांलें व्यतिरिक्त स्रिश्टींतु अन्य कोणिंयी देव किंवा असुर नांचि. मनुष्य जातींतु जे कोणांलें इंद्रियांवयर संयम ना, पुण संयम दवरचाक सात्विक गुण स्वभावान सक्षम आसताचि तांका देव म्हणचांतु येता. जे सर्व साधारण लोभी आसताचि ते मनुष्य आसताचि. जे स्वभावत: क्रूर आसून सर्वांक त्रास दीत आसताचि ते असुर आसताचि. देकून मनुष्य जातीचे जे कोणांलो इंद्रियां वयर संयम ना, दान दिवचि बुद्धि ना, अंत:करणांतु दया ना, पुण तांगेलो सत्व–रज–तम गुणांक लागून देव, मनुष्य, असुर म्हणचांतु

येताचि. देकून मनुष्यालें दायित्व आसता किं ताणिं हे तिन्नी उपदेशांचे पालन करचाक जाय. कारण मनुष्यालें मनावयर स्वभावतः संयम आसना, ते लोभी आनि क्रूर आसताचि. देकून कृष्णान मनुष्याक जागरूक आसचे खातिर काम, क्रोध आनि लोभ हे तीन नरकाचे द्वार आसून तांग्लो त्याग करचाक जाय – ''त्रिविधं नरकस्येदं द्वारं नाशननात्मनः । कामः क्रोधस्तथा लोभस्तस्मादेतत्रयं त्यजेत् ।'' म्हण्णुं सांगिल्लें आसा. केवल अनासक्त भावनेन केलिलें दान मनुश्याक संसारांतले दुश्कर्मातल्यस मुक्त करता.

गीतेंतले शब्दांचो अर्थ केवल सब्दकोशाक लागून करचि न्हंय तर शब्दांचो अर्थ ते शब्दांतले भावमेक लागून समजचो आसता. यज्ञ हो मूळांतु 'युज्' हे धातू वयल्यान स्रिश्टि निर्माण करताना पयलें प्रथम दिव्यशक्तींनि केलिले कार्याक लागून – ''यज्ञेन यज्ञमजयंत देवास्तानि धर्माणि प्रथमान्यासन् । ते ह नाकं महिमानः सचंत यत्र पूर्वे साध्याः संतु देवाः ॥''. कृष्नान सुद्धाय हीचि यज्ञसंस्था – ''सहयज्ञाः प्रजाः सृश्ट्वा पुरोवाच प्रजापतिः । अनेन प्रसविष्यध्वमेश वोऽस्त्विष्टकामधृक् ॥ देवान्भावयतेन ते देवा भावयंतु वः । परस्परंभावयंतः श्रेयः परमवाप्स्यथ ॥'' लोक कल्याणा खातिर करचें कर्म म्हण्णुं पुरस्कृत केलिलें आसा.

देकून 'यज्ञ' म्हळयार अग्निकुंडांतु तूप आनि हवि प्रदान करनुं कर्मकांडांतु सांगिल्लें कर्म करचें मात्र न्हंय तर स्वतःचे शरीर यज्ञकुंड म्हण्णुं येवजून परमात्माक आनि लोक कल्याणा खातिर आपण्यान करचें सर्व कर्म समर्पण करचि मनाचि प्रवृत्ति आसता. जेन्नां श्री शंकराचार्य साधना पंचकम् हे उपदेशपर ग्रंथांतु ''वेदोनित्यमधीयताम्'' म्हण्णुं आग्रह करताचि तेन्नां केवल वेद संहितेंतले ऋचा पठण करनुं न्हंय तर वेद संहितेंतले ऋचांतु सांगिल्ले यम–नियमांचे अनुरूप कर्म करनुं उपलब्ध जावचें भौतिक ज्ञान आनि अध्यात्मिक विज्ञान, शक्ति–सामर्थ्य, धन–संपत्ति, कर्य–कौशल्य लोककल्याणा कातिर समर्पित करचें आसता.

'स्वाध्याय' म्हळयार भौतिक ज्ञान आनि अध्यात्मिक विज्ञान, शक्ति–सामर्थ्य, धन–संपत्ति, कर्य–कौशल्य स्वतःचे भायरचे शरीराचे सुखा खातिर न्हंय तर उपनिशदेंतु – ''आत्मा वा अरे द्रश्टव्यः श्रोतव्यो मंतव्यो निदिध्यासितव्यो मैत्रेय्यात्मनो वा अरे दर्शनेन श्रवणेन मत्या विज्ञानेनेदं सर्वं विदितम् ॥'' सांगिल्ले तरेन भितर आशिल्ले आत्मानुभव घेवचे खातिर करचि साधना आसता. महाभारतांतु सनत्सुजातीय ऋशी सांगता किं वेदांतल्यान ज्ञात जावचो परमात्मा वेदांतले शब्द मात्र जाणचे जनांक अज्ञात आसता. कोणिंयी मनान किंवा बुद्धीन परमात्माक जाणनांचि. जो वस्तु–पदार्थांचे मुखांतर परमात्माक जाणचाक प्रयत्न करता तो केवल वस्तु–पदार्थ जाणता, परमात्माक न्हंय. किंबहुना तोचि परमात्माक जाणता जो वेदांतलें रहस्य जाणता. अंतःकरण शुद्ध आशिल्ले जनांकचि सद्गुरुले आनि परमात्माले अनुग्रहाक लागून वेदांतले रहस्य जाणचांतु येता – ''न वेदानां वेदिता कश्चिदस्ति कश्चित् त्वेतान् बुध्यते वपि राजन् । यो वेद वेदान् न स वेद वेद्यं सत्ये स्थितो यस्तु स वेद वेद्यम् ॥ न वेदानां वेदित कश्चिदस्ति वेद्येन वेदं न विदुर्न वेद्यम् । यो वेद वेदं स च वेदं वेद्यं यो वेद वेद्य न स वेद सत्यम् ॥ यो वेद वेदान् स व वेद वेद्यं न तं विदुर्वेदविदो न वेदाः । तथापि वेदेविदंति वेदं ये ब्राह्मणा वेदविदो भवंति ॥''.

शिवेश्वरोदय हे ग्रंथांतु सांगल्या – ''न वेदं इति आहुर् वेदे वेदो न विद्यते । परात्म वेद्यते येन स वेदो वेद उच्यते ॥''. विवर्णप्रमेय संग्रहांतु नमूद केलिलें आसा किं बुद्धिची व्यापकता श्रुती वयर आधारित आसता, ज्ञान–विज्ञान प्राप्ती खातिर श्रुति आवश्यक माध्यम आसता. सतत निधिध्यासन विचार रहित मनन. हेचि दर्शनाचें परम लक्ष्य जावनुं आसता – ''श्रोतव्यः श्रुतिवाक्येभ्यः मंतव्यश्चोपपत्तोभिः । मत्वा च सततं धेय एते दर्शनहेतवः ॥''. हीचि आसता स्वाध्यायाचि परिपूर्ण कल्पना.

तप म्हळयार शरीर मन आनि वाणीक कश्ट, परिश्रम दिवचें न्हंय. तप म्हळयार ध्यान, धारण करनुं शरीरांतले अवगुण, दुर्गुण भस्म करनुं परमात्माले साक्षात्कार खातिर योग्य करचें आसता. देकून ''तप संताप इति, तप आलोचना इति'' म्हण्णुं व्याख्या करचांतु येता. तपाक लागून पापांचे क्षलन आनि विद्येक लागून अमृतत्व प्राप्ति जाता म्हण्णुं वेदांत देसिका सांगता – ''तपसा कल्मशमं हंति विद्यामृतं अश्नुते ।''. तप तेन्नांचि

सफ़ल जाता जेन्ना तप स्वाध्यायाक लागून अंतःकरण शुद्ध, मन शांत, शरीरांतु स्वास्थ्य, अचरण सुलभ, सरळ, सुरळीत जाता. देकून इंद्रियांक शरण वचून केलिलें कर्म पेक्षा इंद्रियांवयर संयम दवरनुं केलिले कर्म जास्त श्रेयस्कर आसता.

शरीर, मन, भावना आनि प्रतिष्ठे वयर, अहंकारक लागून जालिलो आघात म्हळ्यार हिंसा आसता. सर्व जीवांले गुण स्वभाव समसमान नासल्यारियी ते सर्व प्रजापतीक लागून निर्माण जालिले आशिल्यान जो मनुष्य सर्व भूत जातींक आपण्याले आत्मरूपान पळयता आनि सर्व भूतजातींतु स्वतःक पळयता ''यस्तु सर्वाणि भूतानि आत्मन्येनानुपश्यति । सर्वभूतेषु आत्मानं ... ।'' तो प्रत्येक घटक वेग–वेगळे गुण स्वभावाक लागून वेग–वेगळे तरेन वागत आसल्यारियी तो तागेले सुखांतु सुख, दुःखांतु दुःख सहज आनि स्वाभाविक तरेन अनुभवता. जर मनुष्य आपूण वेगळो आनि अन्य जन वेगळे म्हण्णुं मानता तर तो जे तरेन अन्य जनांले विशय हिंसक आसता ते तरेन आपण्याले स्वतःचे आत्माले विशय सुद्धा हिंसक जावनुं आसता म्हणचाक जाय. अहिंसा मनुष्याक स्वतः दुसर्यांले परिस्थितींतु दवरनुं निरीक्षण करचि कला, एक मानसिक प्रवृत्ति आसता. ताका लागून 'अहिंसा' म्हळयार ती भावना जी कोणांलें, केन्नांयी, खंयचेयी तरेन शरीर, मन, भावना अहंकारान द्वेश, मनस्ताप करचो ना पुण कोणांकयी, कोणालेंयी, केन्नांयी, खंयचेयी तरेन शरीर, मन, भावनेन मैत्रि, सौर्हाद्य दाखयतालो. हें तेन्नांचि साध्य जाता जेन्नां अहिंसा मनुष्याले मनाचि वृत्ति अचारणेंतु व्यक्त जाता.

जन सामान्यांक अध्यात्म पातळीवयलें सत्य अपरिचित, अज्ञात आनि भौतिक पातळी वयर जें असत्य परिचित, ज्ञात आसता. भौतिक पातळी वयलें असत्य परिचित, ज्ञात जावचाक इंद्रियांचे माध्यम आवश्यक आसता; अध्यात्म पातळीवयलें सत्य परिचित, ज्ञात जावचाक इंद्रियांचे माध्यम उपयोजनेंतु येना. सत्याचि व्याख्या शब्दन करचाक येनाशिल्यान उपनिषदांतु सत्याचि व्याख्या 'नेति नेति, न ह्येतस्मादिति नेत्यन्यत्परमास्ति' म्हण्णुं केलिलि आसून सत्य हो शब्द 'अस्' हे धातूंतल्यान उत्पन्न जालिलो आसून जें नित्य निरंतर, शाश्वत, सनातन, अद्वितीय रूपान आसता हे अर्थान समजचांतु येवनुं सत्य जें प्राथमिक रूपान अव्याकृत अस्तित्व आसता तें व्याकृत जालिले नाम–रूपान वर्णन – ''सत्यस्य सत्यमिति; प्राणा वै सत्यम्, तेशामेष सत्यम् ।'' म्हण्णुं केलिलें आसा.

जेन्नां सत्य हे अर्थान समजचांतु येता तेन्नां बिंबरूपान आशिल्लो परमात्मालें अस्तित्व मात्र सत्य आसता आनि ताजे विपरीत प्रतिबिंब रूपान जें अनेक, द्वैतरूपान आसता तें क्षणमात्र, अशाश्वत आईल्यान तें भ्रांत, मायिक असत्य आसता. जो मनुष्य 'सत्य' आनि 'असत्य' हांतूतलो भेद जाणता तो मनुष्य एक प्रतिबिंब 'असत्य' म्हण्णुं मान्य करनुं आनि दुसरें प्रतिबिंब 'असत्य' म्हण्णुं अमान्य करनुं न्हंय तर दोन्निंयी प्रतिबिंब 'असत्य' म्हण्णुं मान्य करनुं दोन्निंयी नाकारता आनि केवल बिंब 'सत्यस्य सत्यमिति' आसा, आसता, शिवाय अन्य कांयी न्हंय म्हण्णुं स्वीकरता.

जेन्नां सत्य म्हळायार अव्याकृत आस्तित्व जावनुं आसल्यार जें व्याकृत जालिलें आसता तें वास्तवांतु असत्य आसता. देकून महाभारतांतु सत्याचि परिभाशा – ''सत्यं ब्रूयात् प्रियं ब्रूयात् न ब्रूयात् सत्यमप्रियं । प्रियं च नानृतं ब्रूयात् एष धर्मसनातनः ॥'' म्हण्णुं करनुं जें अव्याकृत अस्तित्व आसता ते विशयचि उलोवका, व्याकृत जालिले अस्तित्व प्रिय आसल्यारियी असत्य आशिल्यान उलोंव न्हंय. तेचि तरेन प्रिय आसल्यारियी व्याकृत जालिले अस्तित्वा विशय उलोव न्हंय, हेंचि धर्माचि सनातन परिभाशा भौतिक पातळीवयर केलिलि आसा. 'सत्य' आनि 'असत्य' हांतूतलो भेद जो जाणता तो ज्ञानि मनुष्य दैवी संपदा प्राप्त जालिल्यान तागेले अंतःकरणांतु प्रस्थापित जालिले परमात्माक अनुभवनुं तो इहलोकांतल्यान मोक्ष आनि परलोकांतु परमात्माले परम धामांतु प्रवेश करनुं परत जन्म घेवचो ना – ''यद्गत्वा न निवर्तंते तद्धाम परमं मम ॥''.

'अक्रोध' म्हळयार 'क्रोध' करत नासताना आसचें न्हंय. 'अक्रोध' ही एक मानसिक स्थिति आसता. प्रतिकूल परिस्थितींतु सुद्धां मन आनि इंद्रियां वयर संयम दवरनुं शांत, स्थिर आसचे स्थिति 'अक्रोध' स्थिति

आसता. दुसर्यांलो दोश पोळोवनुं विचलित जावचो ना, दोश सुधारचाक आवकाश दिता. आपण्यालो दोश आसल्यार दुसर्यांक जवबदार धरना, दोश सुधारता. वास्तविक जीवनांतु जें मेळचें आसा, घडचें आसा तें मेळता आनि घडता. जें मेळचे नां घडचें ना तें मेळना, तें घडना. पुण साधारण मनुष्य जें ताका मेळचाक जाय तें मेळ्ळें ना, जें घडचाक जाय तें घडले नां तेन्नां तागेलि कामना पूर्ण जालिले नाशील्यान असमाधानी आसता. 'क्रोध:' मन असंतुलित करता. ''जैसे ही दुसरोंका सुख । जलता है सदा देख । चडे जैसे क्रोधका विष । मनोदशा यह । .. वैसे विद्या विनोद विभव । देखकर अन्योंका सुदैव । भडकता जाता शेष भाव । यह है क्रोध ॥'' (ज्ञानेश्वर).

कृष्णान पयलेंचि सांगिल्लें आसा किं मनांतु आशा, इच्छा, कामना जागी जालिल्यान मनुष्य ते विशय आकर्शित जाता, आकर्शित जालिल्यान बुद्धि भ्रश्ट जाता, बुद्धि भ्रश्ट जालिल्यान मनावयर संयम आसना, मनावयर संयम नाशिल्यान बुद्धी नाश जात, बुद्धी नाश जालिल्यान सर्व नाश जाता – ''ध्यायतो विश्जयान्पुंसः संगस्तेषुपजायते । संगात्संजायते कामः कामात्क्रोधोऽभिजायते ॥ क्रोधाद्भवति संमोहः संमोहात् स्मृतिविभ्रमः । स्मृतिभ्रंशाद् बुद्धिनाशो बुद्धिनाशात्प्रणश्यति ॥''.

गौतम बुद्धाले मतान सामान्य मनुष्य संसारांतु तीन तरेचे इच्छा, कामना, आसक्तीक लागून मनांतु तीक्ष्ण तान्हा प्रभावित जायत आसता. जें धन–धान्य, संपत्ति–ऐश्वर्य प्राप्त ना तें प्राप्त जावचि इच्छा, कामना, आसक्ति, तीक्ष्ण तान्हा. जें स्थान–सन्मान, प्रताप–प्रतिभा प्राप्त ना तें प्राप्त जावचे खातिर आसचि इच्छा, कामना, आसक्ति, तीक्ष्ण तान्हा. धन–धान्य, संपत्ति–ऐश्वर्य किंवा स्थान–सन्मान, प्रताप–प्रतिभा प्राप्त करचें तुलनेन प्राप्त जालिलें धन–धान्य, संपत्ति–ऐश्वर्य, स्थान–सन्मान, प्रताप–प्रतिभा त्याग करचि इच्छा, कामना, आसक्ति, तीक्ष्ण तान्हा सर्वांतु जास्त कठीण आनि त्रासदायक आसता. शास्त्र सांगता किं परमात्माका प्राप्ता जवचि इच्छा, कामना, आसक्ति जर तीक्ष्ण तान्हा जावनुं रूपांतारित जालि तर ती सुद्धां त्रासदायक आसता.

वास्तवांतु श्रम, कश्ट घेवनुं केलिले त्याग श्रेयस्कर म्हणचाक येना. त्याग तेन्नांचि श्रेयस्कर आशता जेन्नां तो वस्तु–पदार्थ किंवा संसार सोडनौं राना–वनंतु निवासित जावचांतु सीमित नासताना वस्तु–पदार्थ आनि संसाराचि इच्छा, आशा, आसक्ती, कामना, अपेक्षा त्याग करचांतु व्यापक आसता. झाडावयर चिकटून आशिल्लिं पानं हुमटून काडिल्ले तरेन मनुष्यान जर वस्तु–पदार्थ किंवा संसाराचो त्याग केलो तर तो श्रेयसकर आसचो ना. झाडावयलें पान प्रकृति नियमांक लागून जें सहज, अनायास पदिले तरेन मनुषालि इच्छा, आशा, आसक्ती, कामना, अपेक्षा वस्तु–पदार्थ किंवा संसारापासून सहज, अनायास विसर्जन जावचाक जाय. झाडावयर पान नासल्यार त्याग तो कसलो करचो? धन–ऐश्वर्य, वस्तु–पदार्थ नासल्यार त्याग तें कसलें करचें ? नपूंसक मनुष्याक संसार तो कसलो त्याग करचि, ब्रह्मचर्य कसलें कामाचें ?

जेन्नां मनुष्याले मनांतल्यान जेन्नां आपण्यान कमयिले धन–ऐश्वर्या, वस्तु–पदार्थां, एकत्रित केलिले आप्त–बांधव, सगे–सोयरे विशय आशिल्लि इच्छा, आशा, आसक्ती, कामना, अपेक्षा, जे तरेन झाडावयले पिकिले पानं अनायास गळनुं पडताचि ते तरेन सहज, अनायास गळनुं पडताचि तेन्नां ताका त्याग करचे अशें कांयि आसचें ना. तो प्रसंग, संदर्ब, संभव सहज, अनायास आशिल्यान तो त्याग श्रेयसकर आसून ताका बंधनकारक जावचो ना. तेन्नां त्याग करचाक श्रम, कश्ट घेवचे आवश्यक ना, करण त्याग सहज, अनायास संभवता. ज्ञानी मनुष्य तो असता जो जें मेळचे ना, जें घडचें ना तें मेळ्ळें ना किंवा घडले ना म्हण्णुं इच्छा, आकांक्षा, कामना, अपेक्षा नाशिल्यान तो अस्वस्थ, त्रस्त, दु:खी आसचो ना. जें मेळ्यां, जें घडल्यां तें मेळचें, घडचें आशिल्ले म्हण्णुं मान्य करनुं जो निश्चित, निश्चिंत, शांत जावनुं समाधानान स्वीकारता तो ज्ञानि आसता. तोचि मनुष्य निश्चयान अहिंसक, अभय, अक्रोध आसू शकता, आसता.

जेन्नां मनुष्य वस्तु–पदार्थांचे आकर्षणान मुक्त जाता तेन्नां तागेलें अंत:करणांतु शुभ संकल्प अंकुर पावताचि. मन विकसित आनि जीवन फ़ूल फ़लान भरता. आनि जे तरेन प्रेम दिलिल्यान प्रेम जास्तन् जास्त

पसरत संसारांतु सर्वत्र दरवळत ते तरेन मनुष्याले अंत:करणांतलो शुभ संकल्पाचो सुगंध चारी दिशेन, सर्वत्र दरवळत पसरतालो. इतलेंचि न्हंय तर जे तरेन अहंकारा शिवाय केलिलो प्रेम दिलिले मनुष्याक परत मेळता ते तरेन अहंकारा शिवाय केलिलो त्याग मनुष्याक परत सुख, समाधान दिता. ''मृत्तिका त्यागसे घट । तंतुके त्यागसे पट । बीजके त्यागसे वट । त्याग जैसे ॥ .. तथा जल त्यागसे तरंग । वर्षा त्यागसे अनेक मेघ । वैसे झडते है समस्त भोग ॥ धन–त्यागसे ॥ वैसे ही जो बुद्धिमंत । तजते है देहाहंता । जिससे संसार जात । छूटते हैं ॥'' (ज्ञानेश्वर).

सर्व साधारण मनुष्यालें लक्ष्य स्वत:चे प्रयत्नान मेळचे यश पेक्षां इतरांले प्रयत्नांतल्यान तांका मेळचे अपयश वयर जास्त केंद्रित आसता. देकून तो स्वत:चि प्रशंसा, स्तुति करताना अप्रत्यक्ष दुसर्यांलि निंदा करत आसता. दुसरो मनुष्य वायट आनि अयशस्वी म्हण्णुं सांगतानां अहंकारान अपूण कितलो बरो आनि यशस्वी आसा म्हण्णुं दाखयत आपण्याले स्वत:चे अपयश दुसर्यांले कडचान झांकून दवरचो अप्रत्यक्ष प्ययत्न आसता. ताजे विपरीत साधु मनुष्य निरहंकारी आशिल्यान दुसर्यांलि निंदा करना कारण ताका स्वत:चि प्रशंसा करचि ना, अपयश आयल्यारि तांका मदत करता. देकून तागेले गुणस्वभाव 'अपैशुनम्' – परनिंदेंतु अनासक्त आसता.

सर्व साधारण संसारांतु मनुष्यालें लक्ष्य स्पश्ट नाशिल्यान तो कोण, खंयचान आयला, खंय वच्चो आसा म्हण्णुं विचारल्यार तो पयलें आवय–बापयन दिलिलें नांव, कोणांलो पूत, जाति–धर्म, गांव–प्रदेश–देश, धन–संपत्ती, ऐश्वर्य–वैभव सांगून आपण्यालें व्होडपण दाखयता, आपण्यालि ओळख न्हंय. आपूण कोण, खंयचान आयला, आपण्याले जीवनाचें लक्ष्य, ध्येय कसलें, आपूण खंय वच्चो आसा हें ताका अज्ञात आसता. शिक्षित मनुष्य ज्ञानी आसचाक जाय अशें ना. अशिक्षित आसल्यार तो अज्ञानी आसचाक जाय अशें सुद्धां ना. शास्त्र जाणता म्हण्णुं नबुष ज्ञानी न्हंय; शास्त्र जाणना म्हण्णुं अज्ञानी न्हंय. अज्ञानी तो आसता जो शिक्षित आनि शास्त्र जाणत आसल्यारियी ताका स्वत:चे भविष्य, लक्ष्य, ध्येय अज्ञात आशिल्यान तो अज्ञानि म्हणचाक जाय. मनुष्य शास्त्र जाणनां म्हण्णुं अज्ञानी न्हंय तर स्वत:चे अंत:करणांतु आशिल्लो आत्मा जाणना म्हण्णुं तो अज्ञानि आसा. जर मनुष्य स्वत:चे भायर येवनुं पळयता तर ताका आकाश तरेन विशाल पसरिलि आनि सर्वांक व्यापून काडचि दैवी संपदेचो अविष्कार जाणवतालो.

दैवी संपदा मोक्षाचे दिशेन प्रवास सुलभ, सरळ, सुरळीत करत आसल्यार असुरी संपदा मोक्षाचे दिशेन प्रवास अडथळे, बंधन घालता. देकून परमात्मा आसा किं ना हें महत्वाचें न्हंय. परमात्मा आसाल्यार ताका खंयचे तरेन प्राप्त करचें हें महत्वाचें आसता. मनुष्य त्रिगुण स्वभावान प्रभावित जायत आसता. साधकांलो अध्यात्मिक अध्यात्मिक प्रवास सफ़ल जावचे खातिर दैवी संपदेचे लक्षण तेज, क्षमा, धैर्य, भयर–भितर शुद्धि, अद्रोह, दुरभिमानाचो अभाव, भूत दया – ''तेजः क्षमा धृतिः शौचमद्रोहो नातिमानिता । भवंति संपदं दैवीमभिजातस्य भारत ॥'' म्हण्णुं सविस्तर सांगून आतां कृष्ण अर्जुनाक ताजे विपरीत पाखंड, घमेंड, मिथ्याभिमान, क्रोध, कठोर वाणि, अज्ञान हे असुरा वृत्तिच्चे मनुष्यालिं लक्षणं दाखयता – ''दंभो दर्पोऽतिमानाश्च क्रोधः पारुष्यमेव च । अज्ञानं चाभिजातस्य पार्थ संपदमासुरीम् ॥''.

'दंभ' म्हळ्यार मनुष्यान जें आपूण ना तें आपूण आसा, जें आपण्याले लागीं ना तें आपण्यालागीं आसा, अज्ञानान संपूर्ण झांकिल्लो आसल्यारियी आपूण्यालें अज्ञान निपोवनुं आपूण ज्ञान–विज्ञानाचो अथांग महासागर म्हण्णुं गर्वान, घमेंडीन उलोवचें आसता. दर्प दंभाचेंचि दुसरें रूप आसता. दंभ मनुष्य दुसर्यां कडेन उलयताना धा मुखवटे बदलत आसता पुण दुसर्यांक फ़सयत फ़सयत तो स्वत: फ़सत आसता. आपूण ज्ञानी म्हण्णु भ्रमांतु आशिल्लो मनुष्य शास्त्रविधींचो उपेक्षा करनुं नाम मात्र पूजा आनि यज्ञ करता. दंभ, दर्प आनि अहंकाराक लागून आपण्याले भितर आशिल्ले परमात्मालो प्रभाव काणत नासताना परमात्मालो द्वेश करता जाला लागून ते मूढ जन ज्ञान–विज्ञाना पासून वंचित आसताचि.

'अतिमान' म्हळयार स्वतः विशय असंयमित, असीमित, अत्यधिक आसचो दुरभिमान. स्वतःचे ज्ञानचो, सौंदर्याचो, कर्तुत्वाचो अभिमान आसचें नैसर्गिक आनि स्वाभाविक आसता. पुण ज्ञानि नासल्यारियी ज्ञानि म्हण्णुं समजचें, सुंदर नासल्यारियी सुंदर म्हण्णुं समजचें कर्तुत्व नासताना, कर्तुत्ववान् नासल्यारियी कर्तुत्ववान् म्हण्णुं समजचें एक आभास, घमेंड, दुरभिमान आसून अनैसर्गिक आनि अस्वाभाविक भ्रम देकून धोखादायक आसता. कृष्णान पयलेंचि सांगिल्लें आसा किं मनांतु आशा, इच्छा, कामना जागी जालिल्यान मनुष्य ते विशय आकर्शित जाता, आकर्शित जालिल्यान बुद्धि भ्रश्ट जाता, बुद्धि भ्रश्ट जालिल्यान मनावयर संयम आसना, मनावयर संयम नाशिल्यान बुद्धी नाश जात, बुद्धी नाश जालिल्यान सर्व नाश जाता.

कृष्णान पयलेंचि परमात्माले अभिव्यक्त स्वरूप ''भूमिरापोऽनलो वायुः खं मनो बुद्धिरेव च । अहंकार इतीयं मे बिना प्रकृतिरष्टधा ॥'' म्हण्णुं विस्तारान सांगिल्लो आसा. देकून अहंकार जो स्रव स्रिश्टींतु प्रस्थापित जालो तो परमात्मा तरेन सात्विक आनि शुद्ध आसता. पुण अंतर प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाक लागून तो अहंकार अशुद्ध जावनुं तागेले वागणूकींतु दुर्गंध आसता. ताजे उलट शास्त्र संमत ज्ञान विज्ञानान परिपूर्ण जालिले जनालो अहंकार सात्विक गुण स्वभावान प्रभावित जालिल्यान तागेले वागणूकींतु दैवी स्वरूपाचो अभिमानाक लागून सुगंध पसरता. पुण जगांतु उलयताले जास्त आनि आयकताले कमिं आसताचि. स्वतः समजून घेवचे पेक्षां दुसर्यांक समजावचे जन जास्त आसताचि. कारण स्वतः शिखचे पेक्षां दुसर्यांक शिखोवचें सुलभ आसता. सर्व साधारण मनुष्यांक सर्वांनि वाकून नमस्कार करचें, समर्पित जावचें, शरण वच्चें अपेक्षित आसता पुण अन्य जनांलो आदर करनुं पूजचाक ते आतुर आसनांचि. पुण जो पर्यंत मनुष्यालो अहंकार इंद्रियांचे प्रभावाक लागून दुरहंकार आसता तो पर्यंत तो दुसर्यां कडचान पूजचांतु येवचो ना. जेन्नां तो आपूण स्वतः वेगळो, भिन्न न्हंय तर अन्य जनां तरेन परमात्माले अनेकांतु तो एक अंश म्हण्णुं मान्य करता तेन्नां तो स्वतःचो अहंकार सोडनुं दुसरे जनांलो साधु स्वभाव शोधता.

मनुष्याक पाप करनुं नरकाक वच्चें किंवा विवेक बुद्धि वापरनुं चूक सुधारनुं स्वर्गाक वच्चि संधि आनि स्वातंत्र्य आसता. पुण असुरी स्वभावाचे जनांक कर्तव्य कर्म करचाक कशें प्रवृत्त जावचें आनि अकर्तव्य कर्मां पासून कशें निवृत्त जावचे हें समजना. असुरी संपदा प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाक लागून उपस्थित आसल्यार मनुष्याक ती शोधचें अवश्यक आसता, शोधचाक जाय. कारण ती उपस्थित आसल्यार हूमटून नश्ट करचाक जाय. कारण जर मनुष्यालि मनोवृत्ति इंद्रियासक्त, द्रिश्टीकोण, विचार, आचार असुरी गुण आनि स्वभावान प्रभावित जायत आसल्यार तांगेलि पूजा-पाठ, अर्चना-प्रार्थना, ध्यान-धारणा तांगेलि असुरी संपदा तांका संसाराचे अंधःकारांतु बांदून दवरचि शृंखला जाता. इंद्रियान प्रभावित जावनुं आसचे सर्व साधारण जन यज्ञाचे भितरलें सूक्ष्म तत्व जाण नाशिल्यान यज्ञाचे भायरचे रीत रिवाजांचे, यम-नियमांचे संभ्रमांतु जीवन सोंपयताचि.

दैवी संपदा प्राप्त जावचाक आतुर आशिल्ले साधक स्वतःचे विकासा खातीर अनावश्यक असले विशयांचो विचार करनांचि, आधार घेनांचि. दुसर्यां विशय वैरभाव सोडनुं भितर-भायर शुद्ध दवरनुं असुर गुण स्वभावाचे संपदापासून दूर आसून दैवी संपदा विकास करचाक प्रयत्न करता. मन आनि अंतःकरण अहंकार शून्य आनि दैवी संपदेन समृद्ध जालिल्यान पूजा-पाठ, अर्चना-प्रार्थना, ध्यान-धारणा परमात्माक उद्देशून करता. जें तरेन कस्तूरि मृगाक आपण्याले लागीं आशिल्लो सुवास, परिमळाचें अस्तित्व अज्ञात आसता ते तरेन मनुष्यांक आपण्यालि दैवी संपदा अज्ञात आसता. मायेचे असाधारण आनि असामान्य प्रभावाक लागून तांगेलें मन आनि अंतःकरणावयर अज्ञानाचें अवरणान झांकिल्लें आसता. जीवनांतु मार्गावयर क्षणांतु भेट जाता, क्षणांतु भेट सुटता, प्रसंग येताचि, घटना घडताचि. जें घडचें आसता तें घडता. घडचे घटना, प्रसंग बदलू शकनांचि. जीवनांतु अकारण घटणा घडत आसताचि अशें भास जायत आसता अशें दिसल्यारियी अकारण कांयीं घडना. एकमेकांक दिवचे पेक्षा एकमेकां पासून घेवचि इच्छा, कामना जास्त प्रबल जावनुं मनुष्य आशांत आसता. मन

आशांत जावचाक कांयी कारण आसना. ते प्रसंग आनि घटने वयर तागेलें कसलेंयी नियंत्रण आसना, जाका लगून तो समजता किं तो अकारण त्रस्त जाता. मन आशांत जावचाक कांयी कारण आसना.

पुण अर्जुनाक आतां आपूण परमात्मालोचि एक अंश जावनुं आशिल्ल्यान ज्ञान–विज्ञान तागेलो स्थायी भाव जालिलो आसा. देकून आतां अर्जुनाक भौतिक मोहांतल्यान भायर काडचें कृष्णाक आशिल्लें. कारण अर्जुनाले व्यक्तिमत्वांतु दैवी संपदा स्पश्ट दिसत आशिल्ल्यान ताका कृष्ण असुरी संपदेचि रूप रेषा दाखयता, जें जाणिल्यान अर्जुन सावध आसता. देकून कृष्ण ताका आश्वासन दिता – ''दैवी संपद्विमोक्षाय निबंधयासुरी मता । मा शुचः संपदं दैवीमभिजातोऽसि पांडव ॥''.

संसारांतु मनुष्याक ज्ञान आनि अज्ञान, प्रकाश आनि काळोख, दैवि अनि असुरि प्रवृत्ति साधन म्हण्णुं दोन्निंयी उपलब्ध जावनुं आसाचि – ''द्वौ भूतसर्गो लोकेस्मिन् देव आसुरा एव च । देवो विस्तरशः प्रोक्त आसुरं पार्थ मे शृणु ॥''. मनुष्याक विवेक बुद्धि आसा म्हण्णुं तो जें श्रेय आसा तेंचि वेचंता आनि प्रेय वेंचना म्हण्णुं न्हंय. किंबहुना सामान्य मनुष्य इंद्रियांचे प्रभाव आनि विषयांचे आसक्तीक लागून जें प्रेय आसता तेंचि जास्त करनुं वेंचता, जें श्रेय आसा तें न्हंय. पुण इंद्रियांचे प्रभावाक लागून विषयासक्त जालिलो मनुष्य आयज शास्त्र संमत ज्ञान–विज्ञान प्राप्त जालिल्यान श्रेय वेंचू शकता. तेचि तरेन शास्त्र संमत ज्ञान–विज्ञानान परिपूर्ण आशिल्लो मनुष्य इंद्रियांचे क्षणिक प्रभावाक लागून प्रेय वेंचू शकता. पुण जीव–जनांवरांक, पशु–पक्षींक विवेक बुद्धीन प्रभावित नाशील्यान दोन विकल्पांतु एक वेंचचें स्वातंत्य तांका आसना. ते विवेक बुद्धीक लागून न्हंय तर आपण्याले प्राकृतिक संवेदन शक्तीक लागून जें श्रेय आसता तेंचि स्वीकारताचि. वास्तविक बरें आशिल्यांक वायट जावचें वायट आशिल्यांक बरें जावचें अशें कांयी कर्तव्य आसना.. विवेक बुद्धीन दिलिलें स्वातंत्र्य नाशिल्यान पशु–पक्षींक सुविचार–अविचार करचें, पुण्याचि इच्छा करचि पापाचें भयान कसलेंति त्याग करचि आवश्यकता ना. देकून पशु पाप करना, पुण्य करना. पशु–पक्षींक ऊर्ध्व गतीन वच्चो आदर्श ना, अधो गतीक वच्चें भय ना; पाप केलें म्हणुं दुःख ना, पुण्य केलें म्हण्णुं आनंद ना.

देकून परंपरेक लगून – 'आहारनिद्राभयमैथुनं समन्यनेतद् पशुभिः नराणाम् । धर्मोऽहि तेषां अधिको विशेषः धर्मेण हीना पशुभिः समानाः ॥'' म्हणचाक येत आसल्यारियी सर्व सामान्य मनुष्य इंद्रियांचे प्रभावाक लागून वागत नासतान विवेक बुद्धि वापरत आपण्यालो प्रतिक्रिया दिता म्हण्णुं न्हंय. अन्यथा ''पौलस्त्य कथमन्यारह्रणे न विज्ञातवान् । रामेणापि कथं न हेमहरिणस्यासंभवो%लक्षितः । अक्षैश्चापि युधिष्ठिरेन सहसा प्राप्तो ह्यनर्थ कथं । प्रत्याअन्नविपत्तिमूढमन्सां प्रायो मतिः क्षीयते ॥'' – पुलत्स ऋशीलो पूत आसून रावणाक कशें समजलें ना किं दुस्र्यांले पत्नीक हरण करचें हें पाप असता? रामाक कशें समजलें ना किं भांगरचें चित्तल आसचें असंभव आसता? युधिस्ठराक कशें समजलें ना किं जुगार खेळिल्यान दुःख भोगचें पडता? निश्चित अज्ञानाचो आधार घेतल्यार मन संब्रमांतु पडता. असले प्रसंगांतु विवेक बुद्धीन सक्षम आशिल्लो मनुष्य श्रेश्ठ आसता किं विवेक बुद्धिनाशिल्लो पशु, म्हण्णुं प्रश्नो पडता. तरी पुण मान्य करचें पडता किं विवेक बुद्धि प्राप्त जावनुं स्वतःचो अध्यात्मिक पातळिवयर जे तरेन प्रवास, प्रगति आनि विकास करनुं घेवचें स्वातंत्र्य आसता ते तरेन स्वातंत्र्य जीव–जंतु, पशु–पक्षींक उपलब्ध ना. देकून जर जीव–जंतु, पशु–पक्षि प्रकृतीचे यम–नियमांक लागून जीवनांतलो प्रवास भायरचान भौतिक पातळीवयर करत आसल्यार मनुष्यान आपण्याले प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाक लागून जीवनाचो प्रवास भितरल्यान अध्यात्मिक पातळीवयर करचें अपेक्षित आसता.

कृष्ण सांगता किं शरीरा बरोबर आसचो शारीरिक संबंध सोडचो जितलें महत्वाचें आसता ताजे पेक्षा शरीरा बरोबर आसचो मानसिक संबंध सोडचो जास्त महत्वाचें आसता. जो पयंत मनुष्य आपण्याले शरीरा विशय आशिल्लो काम, वासना, इंद्रियासक्ति मनांतल्यान पूर्ण तरेन विसर्जन करना तो पर्यंत ताका परमात्मा आसा किं ना हो प्रश्नो मनांतु येवचो ना, किंवा परमात्मा आसा म्हण्णुं माननुं ताका शरण वच्चि इच्छा मनांतु येवचि ना. द्रिश्टि वांकले शिवाय मान वांकचें ना. मान वांकलि शिवाय मन वांकचें ना, मन वांकले शिवाय मनांतु

सुप्तावस्थेंतु आशिल्लें परमात्मालें नांव स्मरण जावचें ना, नांव स्मरण जालें शिवाय व्होंटावयर येवचो ना, व्होंटावयर आयले शिवाय परमात्माले नांवाचो निनाद अंत:करणांतु सहज, सरळ, सुरळित प्रतिध्वनित जावचो ना. जेन्नां नाद अंत:करणांतु प्रतिध्वनित जाता तेन्नां जीवनांतले सर्व प्रश्न्यांचे उत्तर मेळनुं सर्व संशयांचे निरसन आनि सर्व बंधनांतल्यान मुक्त जावनुं परम पद प्राप्त जावचक मनुष्य निश्चित सक्षम जातालो.

विवेक बुद्धि आशिल्ले मनुष्याक दोन विकल्प, दोन द्वार, दोन मार्ग उपलब्ध आसताचि – दैविक संपदा प्राप्त जालिल्यान प्रकाशांतु प्रवास करनुं ऊर्ध्वगतीक व्हरचो मार्ग, किंवा असुरी संपदा प्राप्त जालिल्यान अंध:कारांतु प्रवास करनुं अधोगतीक व्हरचो मार्ग. पुण विवेक बुद्धि वापरनुं श्रेय–प्रेय, बरें–वायट, पुण्य–पापाचो विचार करत देव–असुरांलें प्रकाश–काळोखाचे द्वंद्वांतु वावुरचो मनुष्य पूर्णतरेन असुरांलो तामसिक स्वभावा पासून मुक्त जालिलो ना किंवा ताका पूर्णतरेन देवांलो सात्विक स्वभाव अजून प्राप्त जालिलो ना. देकून तो मदले मनुष्य स्थितींतु आसून गुण स्वभावाक अनिरूप साधू किंवा असाधू जावू शकता. पुण सर्व साधारण जीवनांतु असुर स्वभावान प्रभावित जावचे जन जास्त आसताचि आनि आनि दैवी स्वभ्वान प्रभावित जावचे जन कमिं आसताचि.

स्रिश्टि परमात्मालो स्वेच्छेक लागून निर्माण जालि तरियी स्रिश्टि परमात्मान घालनुं दिलिलें ॠत आनि धर्म यम नियमांचे विपरीत आनि घटकांचे आनि प्रामुख्यान मनुष्याले गुण स्वभावाक लागून चलत आसता. कृष्ण म्हणता – ''प्रवृत्तिं च निवृत्तिं च जना न विदुरासुरा: । न शौचं नापि चाचारो न सत्यं तेषु विद्यते ॥ असत्यमप्रतिष्ठं ते जगदाहुरनीश्वरम् । अपरस्परसंभूतं किमन्यत्कामहैतुकम् ॥''. असुरि प्रवृत्तीन विचार करचे अल्प बुद्धीचे जन अशुद्ध, अपवित्र जीवन जगत डोंग आनि घमेंडीक लागून दुराचार करचाक प्रवृत्त जायत लोकांले अहित येवजिताचि. सतत चिंता करत ''यावज्जीवेत् सुखं जीवेत् ऋणं कृत्वा घृतं पिबेत् । भस्मीबूतस्य देहस्य पुनरागमनं कुत: ॥'' होचि जन्म आसा आनि दुसरो ना म्हण्णुं माननुं शरीराचो जन्म काम आनि विशय वासनेक लागून भोग घेवचे सुखा खातिर अन्यायान धन कमयत आसताचि. अहंकाराक लागून, हें हांवे मेळयल्यां, ही इच्छा हांवु पूर्ण करतालों, हांवु यज्ञ करता, दान दिता, हे शत्रूक हांवे हरयल्यां, ते शत्रूंक सुद्धां हांवु हरयतालो, मेगेले लागी धन–संपत्ति आसा, भविष्यांतु जास्त धन मेळयतांलो, हांवु ऐश्वर्यवान् आसून सर्व ऐश्वर्य भोगतालो, हांवु सिद्ध पुरुष, बलिश्ट, सुखी, श्रीमंत, उच्च कुळांतलो, कोण असताले मेगेले तसले महामानव म्हणत जीवंत आसतान जीवनांतु समाधान पावना. ताका लागून तागेलि काम वासना लोभांतु, लोभ क्रोधांतु परिवर्तन जावनुं असुरी गुण स्वभावान बंधिस्थ आसून सुखा पासून वंचित आनि समाधानी जिवनांतल्यान स्थानभ्रश्ट, भ्रमिष्ट जावनुं नरक यातना भोगता – ''अनेकविता विभ्रांता मोहजालसमारुता: । प्रसक्ता: कामभोगेषु पतंति नरकेऽशुचौ ॥''.

स्वत:क श्रेष्ठ म्हण्णुं मानचे हे अहंकारी, घमेंडि जन प्रतीष्ठेचे अहंकारान शास्त्र संमत विधि नियमांचे पालन करत नासताना विपरीत यज्ञकर्म करत स्वत:चे अंत:करणांतु अंशरूपान आशिल्ले परमात्माक अपमान आनि अन्य जनांले अंत:करणांतु आशिल्ले परमात्मालो द्वेश केलिल्यान ते योग्य शिक्षेक पात्र जाताचि. पुण जेन्नां कृष्ण – ''तानहं द्विषत: क्रूरान् संसारेषु नरधमान् । क्षिपाम्यजस्रामशूभानासुरीष्वेव योनिषु ॥ आसुरीं योनिमापन्ना मूढा आत्मनि जन्मनि । मामप्राप्यैव कौंतेय ततो यान्त्यधमां गतीम् ॥'' म्हणता तेन्नां परमात्मा क्रूर आसता म्हण्णुं मानचें उचित आसचें ना. परमात्मा म्हळयार एक व्यक्ति न्हंय तर एक अव्याकृत, शाश्वत, सनातन उर्जा, निराकार, निरपेक्ष व्यवस्था आसता. धर्म एक नियम आसा आनि प्रार्थना एक प्रयोग आसता. एक बाजून शाश्वत धर्म नियम उपलब्ध आसताचि आनि दुसरे बाजून मनुष्याले गुण स्वभाव आसता. हे दोन प्रभावी माध्यमांचे मदें मनुष्याक आपण्यालें जीवनाचो प्रवास करचो आसता. मनुष्याक गुरु किंवा शास्त्र पुण्य कर पाप कर नाका म्हण्णुं सांगना; चलचो मार्ग, चलचि दिशा दाखयता. चलचो मार्ग स्वीकारले नासल्यार, चलचि दिशा धरलि नासल्यार संभाव्य परिणाम भोगचें पडता म्हण्णुं दाखयता.

धर्माचे यम–नियमांक अनुसरून कर्म करचे किंवा धर्माचे यम–नियमांचे विपरीत कर्म करचें हें मनुष्यान आपण्याले विवेक बुद्धीक आनि स्वातंत्र्याक लागून घेवचो निर्णय आसता. परमात्मा किंवा धर्म यम–नियम पूर्ण निष्पक्ष, निरपेक्ष, तटस्थ आसून हस्तक्षेप, पक्षपात करनांचि देकून निर्णय दीनांचि. परमात्मान प्रस्थापित केलिले धर्माचे यम–नियम पालन करचाक मनुष्याक स्वतः बदलचें पडता. धर्माचे यम–नियमांचे अनुसार पूजा, पाठ, ध्यान, धारणा केल्यार केलिलें कर्म सकारात्मक जावनुं ऊर्ध्वगतीचे यश प्राप्त जातालें. जर जीवनाचो प्रवास धर्माचे नियमांचे विपरीत आसल्यार केलिलें कर्म नकारात्मक जावनुं अथोगतीचे अपयश प्राप्त जावनुं असुरी जन्म परत परत नरकांतु तळमळतालो.

कर्म–फ़ल स्रिश्टींतले प्रत्येक घटकांचे उत्तरदायित्व आसता, परमात्माले किंवा धर्माचें न्हंय. कृष्ण सांगता किं काम, क्रोध आनि लोभ हे तीन भाव आसून मनुष्याक नरका दिशेन उघडचे तीन द्वार आसताचि – ''त्रिविधं नरकस्येदं द्वारं नाशनामात्मनः । कामः क्रोधस्तथा लोभस्तस्मादेतत्त्रयं त्यजेत् ॥''. जीवनांतले सर्व कामना नकारात्मक आसनांचि. केवल तेचि कामना जे भौतिक पातळीवयर इंद्रियासक्तीन प्रवृत्त जालिलि कामना हानिकारक आसता, अध्यात्मिक पातळीवयर इंद्रियांचे पेलतडेनचान अनुभवचि कामना सकारात्मक आनि मनुष्याले अभिवृद्धीचि आसता. भौतिक पातळीवयर इंद्रियासक्तींक लागून विषयांचे आकर्षण, कामना क्रोध आनि लोभांतु परिवर्तन जावनुं मृत्यूचे दिशेन व्हरचे कारण जावू शकता.

संसारांतु जीवंत आसतानाचि मरणाचो भय मनुष्याक अनुभव दित आसताचि. तरियी प्रकृतीचे नियमाक लागून पातळीवयले शरीराचें भय शांत जाले शिवाय अध्यात्माचे पातळीवयले अमृतानंद अनुभवचें साध्य जावचें ना. देकून अध्यात्माचे प्रवासांतु धर्म शास्त्र चार आश्रम – ब्रह्मचर्य, गृहस्थ, वानप्रस्थ आनि संन्यास पुरस्कृत करता. धर्मशास्त्र प्रत्येक मनुष्याक पूर्ण करचे तीन ऋणं – ''ब्रह्मचर्येण ऋशीभ्यो यज्ञेन देवेभ्यः प्रजया पितृभ्यः ॥'' उत्तरदायित्व रूपान नमूद केलिलिं आसाचि.

ब्रह्मचर्याश्रम म्हळयार शरीर संबंधांतल्यान परवृत्त जावनुं मनांतल्यान सर्व कामवासना निर्मूलन करचें न्हंय तर तर इंद्रियां वयर संयम दवरनुं शास्त्रंतले ज्ञान–विज्ञान अध्ययन करचें आसता. देकून तागेलें उत्तरदायित्व ''ब्रहचर्येण ऋशीभ्यो'' म्हळयार श्री शंकराचार्यांनि प्रतिपादन केलिले तरेन 'वेदो नित्यमधीयताम्'' ज्ञान विज्ञान आत्मसात् करनुं शरीर आनि मन नित्य निरंतर ब्रह्म भावनेंतु एकात्म करचें आसून प्रतिक्षण स्वानंद अनुभवचो आसता.

गृहस्थाश्रम म्हळयार स्त्रीले बरोबर विवाहबद्ध जावनुं भौतिक पातळीवयर इंद्रियंचो उपभोग घेवचो न्हंय तर शरीर सुधृढ दवरनुं भौतिक जीवन जगत आसताना स्वतःचे आत्मोन्नती खातिर अध्यात्मिक पातळीवयर मनन, चिंतन, धयान धरण करनुं आपण्याले गुण स्वभावाक लागून संसारांतु कर्म स्वतः खातिर न्हंय तर परमात्माले प्रीत्यर्थ विश्वयज्ञ ''यज्ञेन देवेभ्यः'' म्हण्णुं धर्माचरण करचें आनि स्त्रीले सहवासांतु ऊरनुं – ''प्रजया पितृभ्यः'' म्हळयार कुळाचे अभिवृद्धी खातिर कामवासना प्रजोत्पादन करचे खातिर वापरनुं संतान प्राप्त करनुं आपण्याले कुळाचे ऋण साधचें आसता. महाभारतांतु गृहस्थाश्रमाचें वर्णन करताना सांगल्या – ''आधीत्य वेदान् कृतसर्वकृत्यः संतानमुत्पाद्य सुखानि भुक्त्वा । समाहितः प्रचरेद् दुश्चरं यो गार्हस्थ्यधर्मं मुनिधर्मजुष्टम् ॥'' – वेदादि शास्त्रांचे अध्ययन आनि अनुष्ठान करनुं स्वतःचे धर्मपत्नी बरोबर संबंधान संताति प्राप्त करनुं धर्मानुसार भोग भोगत एकाग्र चित्तान मुनिजनांनि सांगिल्ले धर्माचरण करत गृहस्ताश्रम करचो मनुष्य आसता.

जे तरेन ब्रह्मचर्याश्रमांतु आसताना मनुष्यान विद्या संपादन करचें आनि गृहस्थाश्रमांतु आसताना धन–धान्य, ऐश्वर्य–संपत्ती, मान–सन्मान संपादन करचें अपेक्षित आसता, ते तरेन वानप्रस्थाश्रमांतु ब्रह्मचर्याश्रमांतु संपादन केलिलि विद्या, गृहस्थाश्रमांतु संपादन केलिले धन–धान्य, ऐश्वर्य–संपत्ती, मान–सन्मानाचि आसक्ति मनांताल्यान पूर्ण तरेन विसर्जन करनुं पवित्र तीर्थक्षेत्र, नदितीरावयर एकांतांतु वास्तव्य, शुद्ध अन्न सेवन, धर्म कार्यांचे अनुष्ठान आनि धर्माचें पालन करचें आसता. महाभारतांतु वानप्रस्थश्रमाचे लक्षण इंद्रियां वयर संयम,

सर्वां प्रति मित्रता, क्षमाशील, माथ्यावयलें केस, दाडीमिश्या धारण करचें, समयोक्त अग्निहोत्र आनि वेदांचो स्वाध्याय, सत्र्यधर्माचें पालन, शुद्ध तन आनि मन, धर्म पालनेंतु कुशलता, वनाचे एकांतांतु चित्ताची एकाग्रता म्हण्णुं सांगिल्लें आसा – ''दांति मैत्रः क्षमायुक्तः केशंश्मश्रु च धारयन् ॥ ज्युह्वन् स्वाध्यायशीलश्च सत्यधर्मपरायणः ॥ शुचिदेहः सदा दक्षो वननित्यः समाहितः । एवं युक्तो जयेत् स्वर्गं वानप्रस्थो जितेंद्रियः ॥''.

संन्यास म्हळयार संसार, घर दार सोडनुं, माथें मुंडन आनि काशाय वस्त्र धारण करनुं जग भर भिख मागत फ़िरचें न्हंय. महाभारतांतु सांगल्यां – ''काशाय धारणं मौंड्यं त्रिविश्ठब्धं कमंडलुः । लिंगानि उत्पथभूतानि न मोक्षायेति मे मतिः ॥ यदि सति अपि लिंगेऽस्मिन् ज्ञानं एवात्र कारणम् । निर्मोक्षायेह दुःखस्य लिंगमात्रं निरर्थकम् ॥''. तेचि तरेन अन्यत्र म्हळ्यां – ''केशः किं अपराध्यंति क्लेषानां मुण्डनं कुरु । सकाशयास्य चित्तस्य काशायै किं प्रयोजनं ॥''. संन्यास म्हळयार काशाय वस्त्र धारण करनुं परिव्राजका तरेन देश प्रदेश भटकचें न्हंय तर स्वतःचें अशें कायी दवरनुं घेत नासताना सर्व त्याग करनुं, मागिल्ले शिवाय मेळिलें अन्न जेवचें. स्वतःचे धर्माचें प्रदर्शन करत नासताना झाडा सकयल, नदीतीरावयर, पर्वतांचे गुहेंतु, निर्जन स्थानांतु, अहिंसा, ब्रह्मचर्य, सत्य, सरलता, क्रोधाचो अभाव, निर्द्वंद्व, कोणांकयी नतमस्तक जाय नासताना, अग्निहोत्रादि यज्ञांचो त्याग, ममता अहंकारा पासून दूर, योगक्षेमाचि चिंता दवरत नासताना, निष्काम, निर्गुण, शांत, अनासक्त, निराभाव, आत्मपरायण आनि ज्ञानाचो भोक्ता, स्वतःचे आत्मोद्धारा खातिर शेष जीवन जगचें हें संन्यासीलो गुण स्वभाव आसता.

जो मनुष्य हे तरेन जीवनाचे चार आश्रम परिपूर्ण करता ताका यज्ञकर्म केलिलें फ़ल निश्चित मेळता. वास्तवांतु मनुषायलें संपूर्ण जीवन एक अविरत चलचो यज्ञ आसून पयलें चोवीस वर्सं प्रातः सवनाचि आसताचि, नंतरचि चोव्वे चाळीस वर्सं माध्यंदिन सवनांचि आनि शेष अ`` चाळीस वर्सं त्रित्य सवनंचि आसताचि. जो मनुष्य आपण्यालें जीवन एक प्रदीर्घ यज्ञकर्म आसता जें मृत्यु मुखार आयल्यारियी, काळ सोंपल्यारियी करचें यज्ञकर्म सोंपना. सांगचांतु येता किं जेन्नां महिदास ऐतरेयाले मुखार मृत्यु मुखार आयालो तेनां ताणें म्हळ्ळें, आपण्याक कसल्याक रोग दीवनुं त्रास दिता, जेन्नां रोग आयिल्यान ताका मरण येवचें ना ! जो मनुष्य आपण्याले सर्व जीवन एक प्रदीर्घ यज्ञ कर्म म्हण्णुं जगता तो संसाराचे सर्व बंधनांतल्यान मुक्त जाता. देकून प्रत्येक धर्म संप्रदायेंतु सर्व वासना निर्मूलन करनुं मन अकाम जावचें कार्यक्रमाक महत्व दिवचांतु आयल्यां.

वेद शास्त्र म्हळ्यार ऋशीन उच्छारिलें शब्द न्हंय, बरयिलें पुस्तक न्हंय तर शतमानान शतमान आत्मसाक्षात्कारान अनुभविलें सत्य – अस्तित्व, ऋत – सनातन नियम जें संसारांतु धर्म – धारण परंपरागत स्वीकारचांतु येवचें, धर्माचे यम–नियमांचो संग्रह, संकलन आसता. तेचि तरेन कृष्णान गीतेंतु समाज सुधारचाक दिलिलो संदेश न्हंय, रूपरेषा न्हंय किंवा केलिलें आयोजन न्हंय. वेद किंवा गीता स्रोत आसा, अविनाशी आसा देकून श्रेष्ठ आसा. विकासाचि दिशा दाखयता. विकासाचि दिशा दाखोवचें ससार आसता. पुण स्वतःचे गुणस्वभावाचि दिशा बदलनुं दशा बदलचें कठीण आसता. मनुष्यान जेन्नां सत्य म्हळायार अव्याकृत आस्तित्व जावनुं आसल्यार जें व्याकृत जालिलें आसता तें वास्तवांतु असत्य आसता. देकून मनुष्यान स्वतःक बदललें तर तागेलि दिशा बदलता, दिशा बदललि तर तागेलिप् दशा बदालनुं ताका मानाचि शांति आनि मोक्षाचो परमानंद प्राप्त जातालो. जें वेदांतु सांगचांतु आयलें, जें कृष्णान गीतेंतु सांगलें तें ज्ञान आसा, जाणचाक जाय. वेदांतु जे शब्द, संकेत, संदर्भ, प्रसंग वापरले तेचि गीतेंतु वापरिले आसाचि. शब्द, संकेत महत्वाचे न्हंय तर संदर्भ्ह, प्रसंग महत्वाचे आसताचि, समजून घेवचाक जाय. कारण वेदांताले आनि गीतेंतले ज्ञान–विज्ञान बदलत नासल्यारियि शब्द, संकेत, संदर्भ्ह, प्रसंग बदलताचि, काडचो अर्थ, तात्पर्य बदलता.

जे जन शास्त्राचि मदत घेवनुं ते अज्ञानाचे त्तिगुणांतल्यान पेलतडेन वचून अध्यात्मिक अभिवृद्धीचे सदाचरणाचे मार्ग चलताचि – ''एतैर्विमुक्तः कौंतेय तमोद्वारैस्त्रिभिर्नरः । आचरत्यात्मनः श्रेयस्ततो याति परांगतिम् ॥''. आनि जे जन शास्त्राचि मदत घेत नासताना आपण्याले गुण स्वभावाक लागून कर्म करताचि ते संसारांतले

सुख–दुःख भोगत दिशा चुकिलें मनुष्यालें तरेन परमसिद्धि प्राप्त करत नासताना इहलोकांतु परत परत जन्म घेत अनंत काळा पर्यंत संसार चक्रांतु भटकत आसताचि – ''यः शास्त्रविधिमुत्सृज्य वर्तते कामकारतळ् । न स सिद्धिमवाप्नोति न सुखं न परां गतीम् ॥.

आता पर्यंत कृष्णान परत परत आपूण परमात्मा, एक शक्ति, ऊर्जा आसा म्हण्णुं सांगलें आनि आपण्यालें रूपमैश्वर्य दाखोवनुं दिलें तरियी अर्जुनाक तो एक मित्र, सखा जावनुं जास्त प्रभवित जायत कळत नकळत स्पर्धा करत अखेर पर्यंत आशिल्लो. आर्जुन कृष्णाक देवांलो देव म्हण्णुं मानल्यार तो पूजा–पाठ, अर्चना–याचना करनुं पूर्ण तरेन शरण वताशिल्लो किंवा कृष्णाक परब्रह्म, परमात्मा म्हण्णुं मानल्यार तो श्रवण, मनन, चिंतन, ध्यान धारणा करनुं पूर्ण तरेन तागेले व्यापक अस्तोत्वांतु समरस जावचाक प्रयत्न करत आशिल्लो. पुण तशें जालिलें ना कुरुक्षेत्राचे रणांगणा वयर किंवा युद्ध जिंकले नंतर सुद्ध अर्जुना आपण्यालें गुण स्वभावा तरेन स्वतंत्रतायेन प्रत्येक प्रसंगांतु प्रतिक्रिया दीत आसतालो.

अर्जुनाले वागणूकींतु आश्चर्य करचें तसले कांयी ना. कारण जो परयंत मनुष्य जन्माक आयिले पासून शरीर धारण करनुं आसता तो पर्यंत ताका तागेले प्रकृतिज्न्य गुण स्वभावाक लागून प्रतिक्रिया दिवचि पडत. आनिइ अर्जुन ताका अपवाद नाशिल्लो. मनुष्य संसारंतु जो पर्यंत आसता तो पर्यंत मनुष्याक संसारांतालो भ्रमान दिशाभूल जाय नासतान उरचें आवश्यक आसता. देकून कृष्ण परत सारांश रूपान सांगता किं काम, क्रोध आनि लोभ हे मनुष्याक नरकाचे दिशेन व्हरचे तीन द्वार नित्य उघड आसताचि. देकून मनुष्यान ते द्वारा पासून दूर आसचाक जाय – ''त्रिविधं नरकस्येदं द्वारं नाशनमात्मनः । कामः क्रोधस्तथा लोभस्तस्मादेतत्रयं त्यजेत् ॥''. जो मनुष्य हे तीन द्वारा पासून प्रभावित जायना तो जें श्रेय आसा तेंचि स्वीकारनुं पामात्मालें परम पद प्राप्त करता. जो मनुष्य विषयासक्तीक लागून ऋतु–धर्म नियमांक अनुकूल आपण्यालें कर्म करना तो परम सिद्धि प्राप्त जालिलें नाशिल्यान सुख, शांति किंवा परमात्मालें परम पद प्राप्त करचो ना. देकून कृष्ण सांगता किं प्रत्येक मनुष्यान मनांतु कसलेयी पूर्वग्रह धरत नासताना ऋतु–धर्म नियमांक अनुकूल भक्तीन भावपूर्ण जावनुं शास्त्राचे यम–नियमांक अनुसरून कर्म करचक जाय. तेन्नांचि भक्त परमात्मा पासून दूर नासताना भक्त खंय पळयता थंय ताका परमात्मा दिसतालो – ''तस्माच्छास्त्रं प्रमाणं ते कार्याकार्यव्यवस्थिती । ज्ञात्वा शास्ताविधानोक्तं कर्म कार्तुमर्हसि ॥''.

संत नामदेव ''अणु–रेणूपासूनि ब्रह्मांडी भरला । तो म्यां देखिला विटेवरी ॥ स्थावर–जंगम भरूनि उरला । तो म्यां देखिला पंढरीये ॥ वेदशास्त्रपुराणें गाति जयासाठीं । तो पुंडलिका पाठीं उभा दिसे ॥ ...'' म्हण्णूं आनि संत तुकारामांनि – ''ज्याचें जया ध्यान, तेंचि होय त्याचें मन । म्हणवूनीं अवधें सारा, पांडुरंग दृढ धरा । समझून त्याचे पाय, उभा व्यापक विटे ठाय । तुका म्हणे नभा , परता आणूचाही गाभा ॥ मुखीं नाम हातीं मोक्ष, ऐसी साक्ष बहुतांचि । वैषवांचा माल खरा, तूरतातूर्त वस्तूंसि । भस्म दंड न लगे काठी, तीर्थ आटी भ्रमण । तुका म्हणे आडकाठी, नाही भेटी देवाचे ॥'' सांगलें.

रणांगणाचे प्रक्षुब्ध वातावरणांतु अशक्य अशें दिसचे जीवानांतले अनेक प्रश्न्यांवयर कृष्णान आपण्याले विचार व्यक्त केलिले आसाचि. अर्जुनाक सत्याचो अवर्णनीय साक्षात्कार एक क्षणांतु जालो, जें संजयान व्यासांनि दिलिले आशीर्वादाक लागून धृतराष्ट्राक निरूपण केलें. तेंचि कारुण्याचि मूर्त जावनुं आशील्ले वेद व्यासांनि लोककल्याणा खातिर लिखित रूपांतु विस्तारान गीतेंतु निरूपण केलें. जो संवाद क्षणांतु जालो तो गीता पठण केलिल्यान कदाचित् समजचो ना, शब्दार्थ समजल्यारियी गीतेंतलो गूढार्थ आत्मसात् जावचो ना. गितेंतलो गूढार्थ आत्मसात् जावचे आसल्यार मनाचे आनि अंतकरणाचे बांद आशिल्ले द्वार उघडचाक जाय, उघडल्यार भितरलो अंतरनाद दुमदुमत सर्व दिशेन पसरतालो. एक व्यक्तीन विचारिलें प्रश्न्यांचे उत्तर न्हंय तर संसारांतले सर्व प्रश्न्यांचे निरसन जातालें. देकून गीता एकल्याक सांगलि तरियी ति सर्वांक उपलब्ध जालि, सर्वांलें प्रश्न्याक तांतू उत्तर मेळ्ळें. मनांतले सर्व व्यवहार सोंपून परमात्मा हांगा आसा, हांगा ना म्हणचो प्रसंग येवचो

ना. मनुष्य सर्व संसार अवरण करनुं अजून धा आंगुलान आशिल्लों – ''स भूमिं विश्वतो वृत्वाऽत्यतिष्ठद्दशांगुलम् ॥'' परमात्मालो अवर्णनीय, अनिर्वचनीय, विशाल, विराट परम पद आसक्ति आनि द्वेश पासून मुक्त जावनुं प्राप्त जातालों, जो तरेन नदी अथांग सागरांतु मिसळनुं एक रूप जातालो, अधोगतीचो दिशेन प्रवास करनुं पूर्णतरेन उध्वस्थ जावचक न्हंय.

००००० 



# *अध्याय सतरावो*
# *श्रद्धात्रयविभाग योग*

मनुष्यान अध्यात्माचे प्रवासांतु शास्त्रांतले यम–नियम प्रमाण म्हण्णुं स्वीकारचाक जाय म्हण्णुं जेन्नां कृष्णान ''तस्माच्छास्त्रं प्रमाणं ते कार्याकार्यव्यवस्थिती । ज्ञात्वा शास्ताविधानोक्तं कर्म कर्तुमर्हसि ॥'' म्हण्णुं सांगलें तेन्नां अर्जुनाले मनांतु प्रश्नो उठतलो किं जे जन शास्त्रांतले यम–नियम प्रमाण म्हण्णुं स्वीकारत नासताना कर्म करताचि तांगेलि मनाचि स्थिती कशें आसतलि – ''ये शास्त्रविमृत्सृज्य यजंते श्रधयाऽन्बिताः । तेषां निश्ठा तु का कृष्ण सत्वमाहो रजस्तमः ॥''.

अर्जुन जाणता किं परमात्मालें अव्याकृत अस्तित्व शुद्ध, निर्मल, पवित्र आसल्यारियी व्याकृत जालिलि स्रिश्टि सकारात्मक किंवा नकारात्मक प्रभावांक लागून दैवी किंवा असुरि शक्ति निर्माण जाताचि. देकून मनुष्य विवेक बुद्धीक लागून पशु स्वभावान पूर्ण तरेन प्रभवित जायत नासल्यारियी पशु स्वभावांतल्यान भायर पडल्याचि म्हणचाक जायना. कारण सामान्य मनुष्य जे तरेन इंद्रियांचे प्रभावान कामासक्त जाताचि तेचि तरेन देव सुद्धां इंद्रियांचे प्रभावान कामासक्त जावचें दिशुन येता. देकून कृष्णान पयलेंचि सांगिल्लें आस्दा किं सहस्र जनांतु एक जीव प्रयत्न करता, प्रयत्न करतल्यांतु एक परम पद प्राप्त करता – ''मनुष्याणां सहस्रेषु कश्चिद्यतति सिद्धये । यततामपि सिद्धानां कश्चिन्मां वेत्ति तत्वतः ॥''.

मनुष्य आनि जनावरांतु एक महत्वाचो फ़रक आसता; मनुष्याक विवेक बुद्धि प्राप्त, जि जनावरांक आसना. देकून स्रिश्टींतु मनुष्य रूपान जन्म घेतिलो जीव शास्त्र संमत यम–नियम प्रमाण माननुं देव जावू शकता किंवा इंद्रियान आसक्त जावनुं असुर जाता. श्री शंकराचार्य म्हणताचि किं जीवाक मनुष्य जन्म प्राप्त जावचें दुर्लभ आसता, तांतूत पौरुशत्व, वेदज्ञान, आत्मा अनात्माचि विवेकबुद्धी, सम्यक् अनुभव, ब्रह्मभावना, आस्था आनि अध्यात्म साधनुं मोक्ष प्राप्त करचें शतकोटी जन जन्मांतर सुद्धां सरळ साध्य जायना.
परमात्मा प्राप्त जावचें पयलें परमात्माक साकार किंवा निराकार म्हण्णुं मानचें आवश्यक ना. पुण परमात्मालो साक्षारा जावचे खातिर मनुष्याज कुतूहल, जिज्ञासा, मुमुक्षुत्व आनि महापुरुषांले सहवास अत्यंत आवश्यक आसता.

कृष्णान सुरवातीकचि सांगिलें आसा किं परमात्मा सर्व विश्व व्यापून आशिल्यान तागेलो साक्षात्कार जावचाक खंचोयी एक यम–नियम, धर्म संप्रदाय, एक मार्ग चलचें आवश्यक ना; प्रवास खंयचानबीसुरु केल्यारियी, खंयचेयी दिशेन तोंड केल्यारियी परमात्मा दिसत आशिल्यान तो निश्चित प्राप्त जाता. जें आवश्यक आसता तें प्रत्येक मनुष्याक पशु अवस्थेंतल्यान देवाले अवस्थेंतु विकसित जावचे खातिर परम०अत्माले दिशेन पाठ भंत तोंड करनु आसचें आवश्यक आसता. प्रकाशचो शोध घेवचो आसल्यार अज्ञानाचे अंधःकारांतु आसचें न्हंय अतर ज्ञाना–विज्ञानाचे प्रकाशांतु आसचाक जाय. अज्ञानाचे अंधःकारांतल्यान ज्ञाना–विज्ञानाचे प्रकाशांतु आयलें किं तागेले मनाचे बंद द्वार श्रद्धेन उघडल्यार साक्षी भाव जागो जावनुं प्रकाशाचिं किरण भितर अंतःकरणांतु प्रवेश करनुं थंय आशिल्लें परमात्मालें अद्वितीय, अद्वैत रूपाचें दर्शन सहज, सरळ, सुरळीत

जातालो. जेन्नां परमात्मालो प्रकाश पसरता तेन्नां अज्ञानाचो काळोख नाश जालिलें इतलेंचि न्हंय, अज्ञानाचो काळोखाचें अस्तित्व विसर्जन जालिलें जाणवतालें. मनांतले प्रश्ने उठतचे पयलेंचि समाधान जालिल्यान प्रश्ने विसर्जन जातालें.

देकून अर्जुनान विचारिलो प्रश्नो प्रासंगिक आसल्यारियी कृष्णन – ''त्रिविधा भवति श्रद्दा देहिनां सा स्वभावजा । सात्विकी राजसी चैव तामसी चेति तां शृणु ॥'' म्हण्णुं दिलिलें उत्तर सनातन महत्वाचें आसता. कारण श्रद्धा म्हळ्यार एक व्यक्ति, संप्रदाय, परंपरेक लगून निर्माण जालिलो वैयक्तिक विश्वास न्हंय तर भुतकाळा पासून इंद्रियाक लागून खंयचेयी व्यक्ति, संप्रदाय, परंपरेचे विचार आनि संस्कारांचे दडपण, बंधन नासतान मुक्त जालिलें मन जें श्रवण, मनन, चिंतन आयकुवचाक अनिर्बंध, स्वतंत्र आसतालें. किंबहुना श्रद्धा मनाचि मान्यता न्हंय, बुद्धीचि धारणा न्हंय, तर नवे अनुभवांक प्रवेश दिन्चि अंत:करणाचि संवेदनशीलता आसता.

जीवात्मा जीवनांतु प्रकृतिजन्य सत्व–रज–तम गुणांक लागून वेग–वेगळे तरेन प्राभवित जायत आसल्यारियी परमात्मांतु सत्व–रज–तम गुण मिसळून आशिल्यान तो सत्व–रज–तम गुणांक लागून वेग–वेगळे तरेन प्राभवित जायतनासताना ते तिण्णीम् गुणांचे पैलतडेन गुणातीत आसता. देकून जें आता कृष्ण अर्जुनाक सांगता तें अर्जुनाक सीमित ना तर व्यापक आसून सर्व संसाराक उपलब्ध आसता. कारन परमात्मालो संदेश अव्यय योगा त्रेन सनातन आनि व्यापक आशिल्यान तो काळ समयाक लागून सीमित ना. मनुष्याले गुण स्वभावाक आनि उपलब्ध ज्ञान–विज्ञानाचे क्षमतेक लागून तो काळांतरना दुर्मेध जायत आसल्यारियी अव्यय सनातन आशिल्यानजे तरेन भौतिक जीवन विकसित करतान उपयोजक आसतालें ते तरेन अध्यात्मिक जीवन सृजन करताना मार्गा वयले दीपस्तंभ, पथ–प्रदर्शक जावनुं आसतालें.

मनुष्य संवेदनशील आसता, जे तरेन तागेले गुण स्वभाव ते तरेन तागेलि प्तवृत्ति आसता. दुर्योधन म्हणत आसता ''जानामि धर्म्यं न च मे प्रवृत्ति:, जानाम्यहर्मं न च मे निवृत्ति: । केनाऽपि दैवेन हृदि स्थितेन यतहा नियुक्तो अतथा करोमि ॥''. जे तरेन गुण स्वभाव आसताचि ते तरेन तागेलि श्तद्धा आसता, हाका कोणींयि अपवाद आसनांचि. जे तरेन प्राथमिक अवस्थेंतु स्रिश्टीचो विकास अचेतन अवस्थेंतल्यान चेतानावस्थेंतु जायत आसता, जे तरेन जीव–जंतु, पशु–पक्शींलो विकास भौतिक पातळी वयर जायत आसता ते तरेन मनुष्यालों विकास भौतिक पातळी वयल्यान अध्यात्मिक पातळीवर जावचो अपेक्षित आसता. कठ उपनिषदेंतु मनुश्यालें जीवनाचो विकास परीक्षण करनुं शरीरांतु आशिल्ले जीवात्माक रथाचो स्वामी, शरीराक रथ, बुद्धीक सारथी, मनाक लगाम, इंद्रियांक घोडे, विषयांक घोड्यान चलचो मार्ग आनि जीवात्मा भोक्ता म्हण्णुं तुलना केलिली आसा.

पुण वास्तवांतु जे तरेन प्राथमिक अवस्थेंतु स्रिश्टीचो विकास अचेतन अवस्थेंतल्यान चेतानावस्थेंतु ऋतुचे यम–नियमांक लगून जायत आसता, जे तरेन जीव–जंतु, पशु–पक्शींलो विकास भौतिक पातळी वयर ऋतुचे यम–नियमांक लागून जायत आसता, जे तरेन मनुष्यालो विकास प्रकृतिक गुण स्वभावाक लागून भौतिक पातळीवयर तागेले विवेक बुद्धीक लागून सहज, सरळ जालिलो आनि जावचो विकास दिसून येता ते तरेन मनुष्यालो विकास भौतिक पातळीवयल्यान अध्यात्मिक पातळीवयर अपेक्षित आशिल्ले तरेन सहज, सरळ जालिलो दिसून येना. कारण मनुष्य आपण्याक प्राप्त जालिलि विवेक बुद्धि, प्राप्त करनुं दिलिले ऋतु आनि धर्माचे यम–नियम वापर नासताना, विषय वासनेन इंद्रियांचे प्रभावाक लागून तो जीवन जगत आसता.

मनुष्यालो जीवनांतलो प्रवास कठीण आनि दुर्गम आसून विकासा संघर्षाचो आसता. कारण जिवनांतलो संघर्षाक तोंड दिवचें आसल्यार, शरीर रथ आसल्यार रथाचो स्वामि कोण, रथाचो सारथि कोण, लगाम, घोडे कोण, घोड्यान चलचो मार्ग खयचो हें चुकता तर अंतर्मुख जावनुं समजून घेवचाक जाय. रथाचो स्वामि आत्मा, रथाचो सारथि बुद्धि, मन लगाम, घोडे इंद्रियं, विषयं घोड्यान चलचो मार्ग आसल्यार म्नुष्यान नित्य अनित्याचो विचार विवेक बुद्धीन करनुं अध्यात्माचो प्रवास परमात्माले वयर श्रद्धेन केल्यार तो सहज, सरळ, सुरळित जातालो. पुण परमात्मा तरेन त्रिगुणातीत भाव प्राप्त जालिले थोडेचि आसताचि.

श्रद्धेचो यथार्थ जर भौतिक संसारांतु समजलो तर आध्यात्मिक प्रवासांतु उपयोजक आसतालो. कृष्ण म्हणता किं सत्व–रज–तम गुण स्वभाव प्रकृति जन्य आसून ते पूर्व जन्मांतले कर्मफ़लाक लागून वर्तमान जन्मांतु मनुष्याक प्राप्त जालिले आसताचि. सात्विक मनुष्य आसक्त किंवा अनासक्त, भोगी किंवा त्यागी, संसारी किंवा संन्यासी न्हंय तर संतुलित आसता. केन्नां उलोवचाक, केन्नां मौन आसचएं, केन्नां कार्यरत जावचें केन्नां विश्राम घेवचें हें तो जाणता. सात्विक मनुष्य आदेश दीना, उपदेश दीना, संदेश दिता. वृत्ति विनम्र आनि पारदर्शक आशिल्यान तो निर्विशय, निरपेक्ष, तटस्थ आसता. अंत:करणांतु अभिमान नाशिल्यान परमात्माले प्रति शरणागत आसता. कर्म करत आसल्यारियी स्वत: अकर्मी आसता. करम स्वत: खातिर न्हंय तर निमित्त मात्र जावनुं लोककल्याण आनि परमात्माले खातिर करता. राजसिक गुण स्वभावाचो मनुष्य महत्वाकांक्षी आसून जीवनांतु तेज, ऊर्जा, शक्ति, उर्ध्वगति, प्रगति, कार्यशीलता, यश दर्शायता. पौर्वात्य देशांतु सात्विक प्रवृत्तीक महत्व दिवचांतु आयल्यार, पाश्चात्य देशांतु राजसिक प्रवृत्तीक जास्त महत्व दिअवचांतु येता. देकून पाश्चात्य देशांतु अंत:करणांतु असमाधान आनि मनांतु अस्थिरता दिसता. एक क्षण स्वस्थ बसचो ना, बसू शकना, बसल्यार ऊठता, उठल्यार धांवता. कर्म फ़लाचे आशेन देवळाक वता, परमात्माक पूजता, जप–तप, यज्ञ–याग करता. कर्तव्य दक्षता, परिश्रम, एकाग्रता, निष्ठा तागेलें लक्ष्य आनि धन–ऐश्वर्य, सत्ता–संपत्ती, मान–सन्मान तागेलें कर्तुत्व आसता. तमस म्हळयार अहंकार, आलस्य, अज्ञान, बंधन, अधोगमन, मरण आसता. तामसिक मनुष्याले द्रिश्टि वयर अंध:काराचें आवरण आशिल्यान ताका प्रकाश अज्ञात आआसता. मनांतु प्रसन्नता ना, अंत:करणांतु चैतन्य नां, द्रिश्टींतु आशेचें किरण ना, जीवनांतु संगीत ना. यशाचें श्रेय स्वत: दवरनुं अपयशाचि दायित्व परमात्माले पदरांतु घालनुं, शास्त्र आयकना, धर्माचे यम–नियम पालन करना, देवळाक गेल्यार देवाले वयर अंत:करणांतु विश्वास ना, आस्थ्ह ना, निष्था ना, नमस्कार ना, प्रार्थना ना, कृतज्ञता ना तेन्नां थंय श्रद्धा उत्स्फ़ूर्त जावनुं तो परमात्माक शरण कशें आसतालो?

देकून कृष्ण सांगता किं स्रिश्टींतलो विकास प्रत्येकांलो गुण–स्वाभावा आनि श्रद्धेक लागून आसता – ''सत्वानुरूपा सर्वस्य श्रद्धा भवति भारत । श्रद्धामयोऽयं पुरुषो यो यच्छ्रद्धः स एव सः ॥''. जे तरेन गुण–स्वाभाव आसता ते तरेन तागेलि प्रवृत्ति आसता, जे तरेन प्रवृत्ति आसता ते तरेन तागेलि श्रद्धा आसून तागेलो यज्ञ, तप, आहार, हवन, दान करचांतु येता. केलिले कर्माचो यथार्थ श्रद्धेन भौतिक पातळीवयर समजलो तर तो आध्यात्मिक पातळीवयर फ़लदृप जातालो.

स्रिश्टींतु मनुष्य परमात्माक खंड–खंडांतु, स्थूल रूपान अनेक रूपांतु विभाजन जालिलो तरेन पळयता, देकून श्रद्धा तागेलो गुण स्वभावाक अनुरूप अभिव्यक्त जाता – 'सत्वानुरूपा सर्वस्य श्रद्धा भवति भारत ।'. जे जन शद्धा प्रसाद रूपान प्राप्त जालिल्यान कृतज्ञता, आभार प्रदर्शन करचाक देवांक पूजताचि ते सात्विक आसताचि. जे जन सामर्थ्य, सत्ता संपत्ति प्रसाद रूपान प्राप्त जावचाक देवांक याचना करत पूजताचि ते राजसिक आसताचि. जे जन जें प्राप्त आसा तें स्वीकारनुं समधान अनुभवत नासताना जें ना तें प्राप्त जावचाक प्रयत्न करत नासताना देवांले विशय आलस्य भाव धरताचि ते तामसिक आसताचि.

सात्विक मनुष्य देवांक पूजता म्हळयार स्रिश्टींतु जें कांय ज्ञान–विज्ञानान प्रकाशित जालिले दिव्य, संतुलन, सम्यक्, समत्व व्यापक आसता तें देवांलो, साधु संतांलो सहवास सादनुं पूजता. राजसिक मनुष्य यक्ष–राक्षसांक पूजता. यक्ष–राक्षस म्हळयार ते जन जे कोणांले जीवन प्रभावी सामर्थ्य, सत्ता संपत्तीन, महत्वकांक्षेन प्रभावित जालिलें आसता. परमात्माक पूजल्यारियी ती पूजा सामर्थ्य, सत्ता संपत्ती खातिर आसतालि. तो जें ना तें मागता, याचना करता; तो जे आसा, जें मेळ्यां ताजे खातिर प्रार्थनेचे रूपान कृतज्ञता, धन्यवाद, आभार प्रदर्शन करना. तामसिक जनांलि इच्छा इतलीचि आसता किं ते अज्ञानांतले प्रगाढ अंध:कारांतु लोळत आसल्यार तागेले अलस्यांतु कोणिंयी खंड हाडचे नांचि. ते भूत–प्रेतांलि पूजा करत भ्रमांतु आशिल्ले

भ्रमिश्ट जीव आसताचि – ''यजंते सात्विका देवान् यक्षरक्षांसि राजसाः । प्रेतान् भूतगणांश्चान्ये तामसा जनाः ॥''.

यज्ञ म्हळयार होमकुंडांतलो अग्नींतु, अन्न, तूप घालनुं वेद मंत्र सांगत यंत्रवत् करचें भौतिक कर्म न्हंय. यज्ञ धर्म प्रणालीचें एक प्रधान माध्यम जावनुं आसा. शास्त्रान सांगिल्लो म्हळयार ज्ञना–विज्ञानान सक्षम जालिलो ज्ञानी मनुष्यांनि सांगिल्लो तरेन करचें कर्तव्य म्हळयार यज्ञ–कर्म जावनुं आसता. यज्ञ तीन प्रकारान करचांतु येता. कांयी मागत नासताना, कसलेंयि फ़लाचि अपेक्षा करत नासताना केवल लोकसंग्रहा खातीर, प्रजापतीन घालनुं दिलिलो विधि नियमामंक लागून श्रद्धेन करचें कर्म सात्विक यज्ञ आसता. जी दहन–ऐश्वर्य, सत्ता–संपत्ति प्राप्त जालिलि आसता ती सुरक्षित आसचाक, जें प्राप्त जालिलें ना तें प्राप्त जावचे अपेक्षेन असक्त जावनुं अहंकारान पूजा–पाठ, अर्चना–याचना यज्ञ–कर्म करता तो राजसिक आसता. श्रद्धाहीन, मंत्रहीन, शास्त्र विधि नियमांचे विपरीत, मंत्र–विधि विहीन अनि अयोग्य रीतीन, अन्न–दान दीत नासताना, केवल दुसर्यांलो द्वेश बुद्धीन तांका हानि आनि अहित चिंतून केलिलो यज्ञ तामसिक यज्ञ–कर्म आसता.

मन, चित्त, वाणि नियंत्रणेंतु दवरनुं प्रसन्न, पवित्र, सरल, शांत, स्वाध्यायान भावोन्मुख जावनुं देव, परमात्मालो प्रति केलिलें आसता तें तप सात्विक आसत. मन, चित्त, वाणि उत्तेजन, उद्विग्न, उत्कंठ जावनुं सामर्थ्य, सत्ता, संपत्ति, भोग–ऐश्वर्य, मान–सन्मान प्राप्त जावचाक देव, परमात्मालो प्रति केलिलें आसता तें तप राजसिक आसत. मन, चित्त, वाणि उत्तेजन, उद्विग्न करनुं, शरीराक त्रास दीवनुं, अहंकारान, मूर्खपणान दुसर्यांलो विशय द्वेश बुद्धीन, अनिश्ट चिंतून देव, परमात्मालो प्रति केलिलें आसता तें तप तामसिक आसता.

जे तरेन प्रवृत्ति आसता ते तरेन आहार आसता. आहार म्हळयार जेवचें जेवण मात्र न्हंय तर वासनेक लगून प्रत्येक इंद्रियान भोगचि विषय आसाचि. जे तरेन आहार आसता ते तरेन मनुष्यालें शरीर आनि मनाचें आरोग्य, सुख, समाधान, शक्ति, उर्जा, यज्न्य, तप, दान, आनि विकास आसता. जो आहार रसाळ, चिकट, स्थिर आसून अयुष्य, बुद्धि, बल, आरोग्य, सुख आनि प्रीति वाडयता तो सात्विक आसता; जो आहार कडू, आंबट, मिडसो, हून, तिक्षें आसून ताह्र, दुःख, चिंता, रोग, अस्थिरता वाडयता तो राजसिक आसता; जो आहार अर्ध शिजयलो, रसहीन, दुर्गंध, कुशिल्लो, उश्टे आसून मन कलुशित, भ्रमिश्ट, अपवित्र करता तो तामसिक आसता.

मन, चित्त आनि वाणि शांत आनि समाहित दवरनुं कर्मफ़लांतु आसक्त आसनासताना शास्त्राचे यम–नियमानुसार स्वकर्म आनि स्वधर्म म्हण्णुं परमात्मालो प्रति केलिलें हवन सात्विक आसता. शास्त्राचे यम–नियमानुसार पुण अहंकारान अपेक्षित कर्मफ़लांतु आसक्त जावनुं देव–देवतेंलें प्रति केलिलें हवन राजसिक आसता. शास्त्राचे यम–नियमांचे विपरीत, दंभ आनि मिथ्याचरणेन, मंत्र–विधि विहीन अनि अयोग्य रीतीन भूत, पिशाच, अघोरी यम–नियमांचे पालन करनुं केलिलें हवन तामसिक आसता.

कर्तव्य म्हण्णुं, दिलिले दानाचि परत प्रति–फ़लाचि अपेक्षा करत नासताना देश, कालाक लागून केलिलें सपात्र दान सात्विक आसता. कर्तव्य म्हण्णुं न्हंय तर पुण्य, प्रति–फ़लाचे अपेक्षेन केलिलें दान राजसिक आसता. अश्सक्त, अनाश्रित जनांक तुच्छतेन, तिरस्कारान, देश, काल आनि पात्रता पळय नासताना आनि सत्कार करत नासताना, आपूंअ दान दिता म्हण्णुं अहंकारान दिलिलें दान तामसिक आसता.

खंय अज्ञान आसता थंय अंधःकार आसता; खंय अंधःकार आसता थंय प्रकाश आसना, खंय प्रकाश ना थंय परमात्मा उपस्थित आसना, खंय परमात्मा उपस्थित ना थंय अज्ञान आसता; खंय अज्ञान आसता थंय ज्न्यानोदय जायना. हे तरेन सतत फ़िरचें चक्राक संसार चक्र म्हणत आसून तांतूतल्यान मुक्त जावचें आसल्यार मनुष्याक भितर अंतरात्मांतु प्रस्थापित जावनुं आशिल्लो परमात्मालें ज्ञान–विज्ञान प्राप्त करनुं घेवचाक जाय. तेन्नांचि काळजांतलो अज्ञानाचो अंधःकार आनि मनांतलो अहंकार नाश जावनुं थंय परमात्मालो रूपमैश्वर्याचो ज्ञानोदय जातालो.

ध्यानांतु आसचाक जाय किं परमात्माले आकाराचें दर्शन जावनुं परमात्मान सर्व दिशेन पसरिलें दिसल्यारियी मनुष्याले मन स्वस्थ किंवा अंतःकरणांतलि तळमळ सोंपना. जे तरेन वाळवंटांतल्यान प्रवास करताना मृगजल पळयिल्यान सर्व दिशेन उदाकचि उदाक दिसल्यारियी समधान जायना जो पर्यंत मनुश्य तळ्यांतु भिजून तागेले सर्व आंग रोमांचित जायना. नदी तीरा वयर आयल्यारियी, नदींतु उतरल्यारियी, हातांतु उदाक धरल्यारियी दोळ्यावयर विश्वास नासताना मनुष्य  भ्रमांतु पडता. असले प्रसंगांतु मनुष्यान उदाकाचो घोट घेवचो आसता, घोट घेतल्यार काळीज थंड आनि मन शांत जावनुं  द्रिश्टी सतेज जातालि.

संसारांतु परमात्मालें अवतरण तेन्नांचि अनुभवचांतु येतालें जेन्नां मनुष्याले काळजांतु परमात्मालो साक्षी भाव प्रत्येक घटना घडताना, जीवन सृजन जाताना, क्षणान् क्षण जाणवतालें. परमात्मालें दर्शन इंद्रियांचे मुखांतर पोळोवचाक जायना, अंतःकरणांतु तक्षण, जे तरेन वीज एक क्षणांतु झळकता ते तरेन अनुभवचें आसता. अनुभवचे मनुष्याक जें अज्ञात आसता तें एक क्षणांतु ज्ञात जावनुं तो द्रश्टा, दार्शनिक जाता. परमात्मालें दर्शन तक्षण, अनायास जावनुं तो परमात्माक सर्वस्वी समर्पित जाता. शरणागतीचो प्रवास करचो आसना, शरणागतीचो प्रवास शरणागत जालिल्यान पूर्ण जाता. आपूण शरण वचत आसा म्हणचें अहंकाराचे लक्षण आसता. शरणागति म्हळायर अहंकाराचि अनुपस्थिति आसता. अहंकार नाशिल्यान थंय मनुष्यालें अस्तित्व उरना. मनुष्याले सर्व अस्तित्व शरण गेलिल्यान मनुष्याक अधीक समर्पण करचें कांयी आसचें ना. सर्व समर्पित जालिल्यान पोळोवचें सोंपता कारण आपूण पळयता ही भावना विरघळून पडिलि आसत. नदी अथांग सागरांतु प्रवेश केलिले तरेन जीवात्मा परमात्मांतु समरस जाता.

मानस सरोवरा तरेन विशाल, विस्तीर्ण आसल्यारियी अंश रूपान परमात्मालो साकार रूपाचो साक्षात्कार जालिल्यान तागेलें निराकार अस्तित्व आत्मसात् जवचें ना. साकार रूपाचि सीमा साकार रूप पळयिल्यान सोंपता, जे तरेन गंगासागराचें दर्शन घेतिले नंतर महासागराचि कल्पना येत आसल्यारियी महासागराचि असामान्य महान्, व्यापक, गूढ्ढ, रहस्य आत्मसात् जवचें ना. अंशमात्र आशिल्ले साकार रूप पूर्णरूपान आशिल्ले निराकारांतु समावेश जालिल्यान अंशमात्र आशिल्ले साकार रूपाक अंशमात्र आशिल्ले साकार रूपाचें असामान्य महान्, व्यापक, गूढ्ढ, रहस्याचि कल्पना करचें अगत्य आसचें ना.

छंदोग्य उपनिषद् म्हनता किं जेन्न संसारांतले न्द्यो महासगरांतु समावेश जाताचि तेन्नां खंय्चें उदाक गंगा नदीचें, खंय्चें उदाक नायल नदीचें, खंय्चें उदाक अमेझोन  नदीचें किंवा खंय्चें उदाक डान्यूब नदीचें म्हणुं सांअचें शक्य जावचें ना – ''इमाः सोम्य नद्यः पुरस्तात्प्राच्यः स्यंदंते  पश्चत्प्रतीच्यस्ताः समुद्रास्तस्समुद्रमेवापियंति स समुद्र एव भवति ता यथा तत्र न विदुरियहमस्मीयममस्मीति ॥''. पुण विभक्त जालिले जीवात्माक स्रिश्टींतु अविभक्त रूपान आशिल्लो परमात्मा किंवा ते परमात्मा जाणनुं घेवचि अवश्यकता जाणवना, हें मनुष्यालें दुर्भाग्य जावनुं आसता म्हणचाक जाय.

परमात्मा उपनिषदांतु सांगिल्ले तरेन भितर मनुष्याले अंतःकरणांतु 'अंगुष्टमात्रः पुरुषो मध्य आत्मनि तिष्ठति । ... ऊर्ध्वं प्राणमुन्नयत्यपानं प्रत्यगस्यति । मद्ये वामनमासीनं विश्वे देवा उपासते ॥'' आसता देकून मनुष्यांक परमात्मा भायर देवळांतु, तीर्थ क्षेत्रांतु, आकाशांतु, पर्वतांतु, नदींतु शोधचें आअश्यक ना. छंदोग्त उपनिशदांतु सांगिल्ले तरेन परमात्माक भितर अंतःकरणांतु प्रयत्न पूर्वक शोधचाक जाय – ''हरिः ओं अथ यदिदमस्मिन् ब्रह्मपुरे दहरं पुंडरीकं वेश्म दहरोस्मिन् अंतराकाशः तस्मिन्यदंतन्वेष्टव्यं तद्वाव विजिज्ञासितव्यं ॥''.

परमात्माक प्राप्त जावचे प्रवासांतु कृष्णान सांगचें आदेश किंवा उपदेश न्हंय तर विभक्त म्हण्णुं भ्रमांतु आशिल्ले जनांलें अज्ञान दूर करनुं तांका शास्त्र आनि शस्त्राचे माध्यमान अविभक्त रूपान आसिल्ले परमात्माक प्राप्त करनुं घेवचो एक अवकाश आसता. गीताशास्त्र प्रवचन आयकलिल्यान, स्मरण करनुं नित्य पठन केलिल्यान परमात्मा प्राप्त जायना. पुण अध्यात्माचे प्रवासांतु गीताशास्त्र मार्ग दाखोवनुं, मार्गा वयर आसचे कठीण अडथळे निदश्र्शनाक हाडनुं, चलताना पाळचे यम–नियम निरूपण करनुं मदतीचो हात दिवू शकता.

परमात्मा सरोवर दाखयता, मार्ग दाखयता, आयदन हाडनुं दिता, आयदनांतु उदाक भरनुं दिता. पुण मार्ग चलचें, आयदनांतलें उदाक पीवचें दायित्व मनुष्यांलें आसता, परमात्मालें न्हंय. तहान मनुष्याक लागिलि आसता, परमात्माक न्हंय.

यात्रा शीघ्रतायेन सोंपचि ना, पुण शीघ्रतायेन सुरवात करचाक जाय. परमात्मा तितलो दूर ना जितलो मनुष्य समजता. स्वर्ग तितलें दूर ना, जितलें तो समजता. जीवन रूपांतरित जावनुं जीवनांतु परत प्रकाश पसरतालो. यात्रा केन्नां सोंपलि हें समजचें ना, आकस्मिक, अकस्मात् एक क्षणांतु सोंपतालि. मनाचे बंद द्वार उघडल्यार, द्रिश्टिकोण बदलल्यार परमात्मा आनि परमात्मालें स्वर्ग तागेलो भितर काळजांतु विशयांचे पांघरूणां सकयल निपून आशिल्लें निश्चित दिसतालें. मार्ग चलल्यार, चलताना यम–नियमं पालन करनु दोन हात पसरनुं परमात्माक शरण गेल्यार अकस्मात् आकस्मिक ओंकाराचो अनाहत नाद आयकुवचाक येतालो. मंद आशिल्लि आत्मज्योत प्रज्वलित जावनुं ते प्रकाशांतु परमात्मा तागेले अनंत हात पसरनुं आपण्याले व्यापक अस्तित्वांतु समावेस करनुं घेवचाक् उभो आशिल्लो दिसतालो.

कृष्ण म्हणता – ''ओं तत्सदिति निर्देशो ब्रह्मणस्त्रिविध स्मृतः । ब्राह्मणस्तेन वेदाश्च यज्ञाश्च विहिताः पुरा ॥''. ओंकाराक कसलोयि अर्थ ना, कारण ओं एक शब्द न्हंय तर नित्य, शाश्वत, सनातन, अव्यय, अक्षर,अनाहत नादब्रह्म आसा जो उदाक फ़ातरांतल्यान व्हांवताना, वारो झाडाचे पानांताल्यान सुळसुळताना, मेघ आकाशांतु गडगडताना द्वनिरूपान रूपांतरित जावनुं संसारांतु अनादि आनि अनंत काळ व्हांवचो प्रवाह आसता.

संसारांतु परंपरेक लागून ''ओं तत्सदिति निर्देशो'' म्हण्णुं प्राप्त जालिलि व्याख्या आसा. अ, उ, म हे तीन अविश्कारान सर्व अस्तित्वांतु भूत, वर्तमान आनि भविष्य काळांतु विस्तारैत जायत आसल्यारियी ओंकार केन्नांयि अपूर्ण आसना. प्रत्येक घटकांतु ज्ञान–विज्ञानाचें आस्रित जावनुं संसाराचें भूत, वर्तमन आनि भविष्याक ''ओमित्येदक्षरमिदं सर्वं भूतं बवद्भविष्यदिति सर्वमोंकार एव ।'' म्हण्णुं आकार दिता. 'ओं', 'तत्' म्हळयर अखेरचें सत् स्वरूपाचें अस्तित्व, अंतिम आनि श्रेष्ठ भाव, अंतिम लक्ष्य, निःशब्द नादब्रह्म जो नित्य, निरंतर, अहार्निश, दिवस रात्र अंतःकरणांतु स्पंदन आनि इंद्रियांक प्रभावित करनुं जीवन सृजन करता.

'ब्रह्म' म्हळयार जें अविभक्त बिंब रूपान अव्याकृत आसून तें स्रिश्टिरूपान प्रतिबिंब, नामरूपान व्याकृत, विभक्त, क्षूद्रांतले क्षूद्ररूपान सर्वांतु विस्तीर्ण, विस्तार जालिलो आसता. ''पूर्णमदः पूर्णमिदं जीवनाक सीमा आसता देकून जीवन अपूर्ण आसू शकता, जे तरेन संसारांतले पूर्णात्पूर्णमुदच्यते । पूर्णस्य पूर्णमादाय पूर्णमेवावशिष्यते ॥'' म्हण्उं ईश उपनिषद विश्लेषण करता. परमात्मा पूर्ण आनि असीम अस्तित्व आशिल्यान आनि परमात्माले व्यतिरिक्त कांयी आसचें शक्य नाशिल्यान ते पूर्णांतल्यान पूर्णरूपान आशिल्लि स्रिश्टि काडल्यारियी तो अपूर्णा केन्नांयि जाय नासताना तो पूर्णचि आसता. देकून शास्त्र ओंकारान सुरवात जाता आनि ओं तत्%% सत् म्हण्णुं पूर्ण जाता. जें परमात्मा पासून सुरु जालें तेंचि परम्मात्मांतु समाप्त जाता.

जीवनाचो एक क्षण उलटलो किं मनुष्य तो क्षण विसरता, नवो क्षण येवचो आतुरतायेन पळयता. मनुष्यान जें भूत काळांतु मागलें, वर्तमान काळांतु मागता हें तो भविष्य काळांतु जें मागतालो तें निर्धारित करता. भूत काळांतले अनुभव आनि भविष्य काळांताले स्वप्न मनुष्याक वर्तमान काळांतु स्वतंत्रतायेन, निस्चिंत जावनुं जीवन जगचाक अवकाश दीनांचि. संसाराचे जीवानाक सीमा आसता, अपूर्ण आसता, पूर्ण केन्नांयी आसना. भूत काळांतले अनुभव आनि भविष्य काळांताले स्वप्नाचे बंधनांतल्यान जर मनुष्य मुक्त जालो तर तागेले वर्तमान जीवन पूर्ण आसून तांतूतल्यान कांयि उणें करचाक जावचें ना. वर्तमान जीवन अध्यत्म जीवन जगचें आसता. भूत काळ नाशिल्यान मनावयर अनुभवांचे वजन भांवचें ना, भविष्य काळ नाशिल्यान मनांतु स्वप्न, कामना, आकांक्षा, महत्वाकांक्षा आसचि ना.

ब्रह्मज्ञानि जन आपण्याले यज्ञ, दान आनि तप कसलेयी फ़लाचि आशा करत नासताना आचरणणेंतु हाडताचि – ''यद्वाचाऽनभ्युदितं येन वागभ्युद्यते । तदेव ब्रह्म त्वं विद्धि नेदं यदिदमौपासते ॥'', ''तस्मादोमित्युदाहृत्य

यज्ञदानतप:क्रिया: । प्रवर्तंते विधानोक्ता: सततं ब्रह्मवादिनाम् ॥ तदित्यनभिसंधाय फ़लं यज्ञतपक्रिया: । दानक्रियाश्च विविधा: क्रियंते मोक्षकांक्षिभि: ॥''. देकून सत् शब्द अस्तित्व आनि साधुभाव निदर्शन करचाक ओं शब्द उच्छारून सर्व कर्म करचांतु येताचि – ''सद्भावे साधुभावे च सदित्येतत्प्रयुज्यते । प्रशस्ते कर्मणि तथा सच्छब्द: पार्थ युज्यते ॥''.

जें युद्ध कुरुक्षेत्राचे रणंगणावयर कौरव पांडवाले मदें घडलें तें इतुइहासांतलि एक महत्वाचि घटना आसा. पुण भौतिक पातळिवयलि ऐतिहासिक घटन व्यासांले दिव्य द्रिश्टीक आनि व्यापक कल्पना शक्तीक लागून तें अध्यत्मिक पातळी वयर व्यासंनीचि सांगिल्ले तरेन ''कृतं मयेदं भगवम् काव्यं परमपूजितम् ॥ ब्रह्मन् वेदरहस्यं च यच्चान्यत् स्थापितं मया । सांगोपनिषदां चैव वेदानां विस्तरक्रिया ॥ इतिहासपुराणानामुन्मेषं निर्मितं च यत् । भूतं भवयं भविष्यं अच त्रिविधं कालसंज्ञितम् ॥'' म्हण्णुं संसारांति जे कोणिंयि श्रेष्ठ कावि म्हण्णुं नामांकित जाताले ते सर्वांक आश्रय स्थान जाताले, जे तरेन एघ सर्व प्राणीख हो ग्रंथ अक्षय वृक्ष जातालो – ''सर्वेषां कविमुख्यानामुपजीव्यो भविष्यतै । पर्जन्यं इव भूतानामक्षयो भारतद्रुम: ॥''. भगवद् गीतेचो विशय कुरुक्षेत्रांतु घडिले युद्ध जावनुं उरलो ना, पुण दर दिसाचे संसारांतु, मनुष्याले मनांतु, काळजांतु दर दीस कळत नकळत भायर न्हंय तर भितर घडचे पुण जानवना, मन आनि अंत:करणांतु घडत आसचो संघर्ष जावनुं आसा.

कृष्ण परत परत स्पश्ट करता कि श्रद्धा नासताना केलिलें हवन, दिलिलें दान, केलिलें तप, केलिलें कर्म सर्व व्यर्थ आसा. श्रद्धा म्हळ्यार परमात्माक समर्पण. श्रद्धा म्हळयार जे तरेन परमात्मा जिवन सृजन करता ते तरेन जीवन जगचें. हेंचि आसता यज्ञकर्म, स्वत: संसारांतल्यान मरनुं स्वत: परमात्मांतु जगचें. अन्यथा होम–हवन तप–दान असत् आसतालें; इह लोकांतु किंवा परलोकांतु लाभदायक आसचें ना – ''अश्रद्धया हुतं दत्तं तपस्तप्यं कृतं च यत् । असदित्युच्यते पार्थ न च तत्प्रेत्य नो इह ॥''. जे कोणें ते सनातन सत्याचो अनुभव घेतलो, परमात्मालो तो अनाहत नाद आयकलो ते नादाचो उक्तें स्वरूप शब्दांतल्यान करचो प्रयत्न केलो तोचि वेद रुपान संग्रहित जालो. उपनिषद सांगता किं हो प्रयत्न पूर्णतरेन सफ़ल जालो ना, कारण वाणि जालिलो साक्षात्कार पूर्णतरेन मनान ग्रहण करचाक जाय नासता परतलि – ''यतो वाचो निवर्तंते अप्राप्य मनसा स ।''. देकून ध्यानांतु दवरका किं वेदांतले ज्ञान–विज्ञान अव्याकृत परमात्माक शब्दांतल्यान संगठन करूं शकना, करना. वेद अशब्दाचे शाब्दिक रूप जावनुं आसा. देकून ते संकेत रूपान संघटन केलिलें आसा, संकेताचे माध्यमांतल्यान समजचें आसा. तेन्नांचि अरुणीन तागेले पुत श्वेतकेतूक सांगिल्ले तरेन जें आयकलिल्यान सर्व कांय आयकुवचांतु येता, जें विचार केलिल्यान सर्व कांय मनन करचांतु येता, जें जाणिल्यान सर्व कांय जाणचांतु येतालें.

परमात्माले अव्याकृत अस्तित्वा पासून व्याकृत रूपांतु परिवर्तन जालिले अनेक रूपांतु श्रेष्ठ म्हण्णुं मानचांतु येवचें मनुष्यालें अस्तित्वाचि सुरवात जि परमात्मा पासून जालि ती परमात्मांतूचि अंत जाल्यारि तागेले जीवनाचें वर्तुळ सम्मृद्ध आनि पूर्ण जालें म्हणचाक जाय. अनंत काळ अस्तित्वांतु आशिल्लें जीवात्मालें अस्तित्व परमात्माले अनंत अस्तित्वांतु समावेश जातालें.

००००० 



# *अध्याय अठरावो*
# *मोक्षसंन्यासयोग*

पांडव आनि कौरवांलो परस्पर संघर्ष, कुरुक्षेत्राचे रणांगणावयर जालिलें महायुद्ध, कुरुक्षेत्र युद्धाचें पयलें आनि नंतर कृष्णालि भूमिका हे भारतीय इतिहासांतु महत्वाचि घटना जावनुं आसाचि. पुण ते सर्वा पेक्षा परमात्मान पयलें सूर्याक दिलिलो सनातन अव्यय योग, जो राजर्षी आनि महर्षीलें मुखांतर हस्तांतर जाताना जो दुर्मेध, भ्रश्ट जालो तो देवकीपुत्र कृष्णान पांडुपुत्र अर्जुनाक निरूपण केलो आनि द्वैपायन कृष्ण व्यासांनि तो इतिहासांतले एक महत्वाचे घटनेचे पार्श्वभूमीवयर ग्रंथित करनुं संसाराक प्राप्त करनुं दिलो हें जास्त महत्वचें आसा.

कृष्ण आनि अर्जुनाले मदें जालिलो हो संवाद दोन मित्रां मदलो संवाद नाशिल्लो तर कृष्णाक माध्यम करनुं परमात्मान संसाराक उपलब्ध करनुं दिलिलो सनातन अव्यय योग आसा. जेन्नां कृष्णाक इतिहासाचे चौकटींतु बसोवचाक पळयताले जन इतिहासाक जमा जाले आनि कृष्ण आनि अर्जुनाले मदलो संवाद संसारांतु सामाजिक, सांस्कृतिक, धार्मिक, अध्यात्मिक परिवर्तन हाडचो एक कांतिकारी दिव्य संदेश, वैचारिक प्रवाह, ज्ञान गंगासागर जालो.

संत ज्ञानेश्वर म्हणताचि – ''अजी ! यह गीतारत्नप्रासादका । कलशही है अर्थ चिंतामणिका । अथवा है सभी गीतादर्शनका । है पथ–दीप ॥ लोगोंमें रही है यह मान्यता । जब दूरसे कलश दीखता । तब तो सहज दर्शन होता । देवताका भी ॥ कलशके बाद कुछ भी कहीं । मंदिरका काम रहता नहीं । यह बात आष्टदशमें यहीं । दीखती स्पश्ट ॥ ... हुए कार्यमें रही जो अपूर्णता । कलशमें होगी वह पूर्णता । वैसे अश्टादश विचार कहता । साद्यंत गीताका ॥ ... अठारवा अध्या यहीं नहीं । समग्र एकाध्यायी गीता गीता यही ।''.

भगवद् गीतेंतु तर्क ना, सिद्धांत ना, भाषण ना, बोध ना. पयलें अध्याया पासून मनुष्याले मनांतु अज्ञानाक लागून निर्माण जावचो विशाद, विशादाक लागून मोह, मोहाक लागून कुतूहल, कुतूहलाक लागून जिज्ञासा जागि जायत अठरावे अध्ययांतु भौतिक पातळीवयर मोहाचें, अध्यात्मिक पातळीवयर संशयांचे निरसन जावनुं संसाराचे बंधनांतल्यान मुक्ति प्राप्त जावचें अपेक्षित आसा.

तरियी अठरावे अध्यायाचे सुरवातीक थोडे थोडे प्रश्ने अर्जुनाले मनांतु अजून आशिल्यान – ''संन्यासस्य महाबाहो तत्त्वमिच्छामि वेदितुम् । त्यागस्य च हृषीकेश पृथक् केशिनिषूदन ॥'' प्रश्न्यांचे निरसन जावचें आसा. मनुष्यालें अध्यात्मिक जीवन विकसित जावचे पयलें भौतिक पातळीवयले जीवन घर–दार, धन–धान्य, ऐश्वर्य, सत्ता–संपत्ति सर्व निश्चित प्राप्त करनुं विकसित जावचें अपेक्षित इतलेंचि न्हंय तर अत्यावश्यक आसता, जें प्राप्त जावचाक कर्म कर न्हंय म्हण्णुं कोणियीं सांगनांचि. पुण जें आग्रहान सांगचांतु येता तें संसारांतले घर–दार, धन–धान्य, ऐश्वर्य, सत्ता–संपत्तीचे अहंकार आनि विषयांचे आकर्षणाक लागून आसक्त जाय नासताना त्यागबुद्धीन सर्वांचो उपभोग घेवचें आसता. कारण संसारांतु जितले जन, तितले मन, तितले द्रिश्टिकोण, तितले ढंग, तितले अंग, तितले अभिप्राय, तितले विचार आनि तितलो आचार आसताचि – ''नाना

तपें नाना दानें । नाना योग नाना साधनें । हे सर्वहि देवाकारणें । करिजेत आहे ॥ पावावा देवादिदेवा । बहुविध श्रम करावा । तेणें देव ठाईं पाडावा । हें सर्वमत ॥'' (दासबोध).

अर्जुन मित्र आशिल्यान प्रश्ने विचारचें चलत आसता. पुण कृष्ण अर्जुनालो मित्र आनि सखा आशिल्यान कितलें सांगून मित्राक समाधान जाल्यारियी अजून कृष्णाक सांगचांतु रस आसा. संवाद दोन मित्रं मदलो, केवल गुरु–शिष्या मदलो न्हंय. अर्जुन जो पयलें कृष्णालो मित्र, सखा, संबंधि, परमात्मा पासून विभक्त आशिल्लो तो पायरि पायरीन साधकाले रूपान विकसित जावनुं अखेरीक सभक्त जालिलो आसा.

जो मनुष्य संन्यास आनि त्याग हांतूतलो भेद समजत नासताना, भितर कर्म फ़लाचि आसक्ति दवरनुं भायरचान केवल वस्तु, घर–दारा पासून संन्यास घेवचाक दूर अरण्यांतु निवास करता ताणें त्यागाचो यथार्थ समजलो ना. वस्तु त्याग करका म्हण्णुं कोणांलोयि आग्रह आसना, वस्तु–पदार्था विशय आशिल्लि इच्छा, आशा, आकांक्षा, कामना त्याग करचो आग्रह आसता. कारण वस्तु–पदार्थ त्याग करचें सुलभ आसता, वस्तु–पदार्था विशय आशिल्लि इच्छा, आशा, आकांक्षा, कामना त्याग करचें कठीण आसता. वस्तु–पदार्थ त्याग केलिल्यान संन्यास सफ़ल जायना. वस्तु त्याग केले नंतर सुद्धां ते वस्तूचि इच्छा, आशा, आकांक्षा, कामवासना आसल्यार सन्यास घेवनुं कितें करचें ?

मनुष्यान समजचाक जाय किं संसारांतु जन्माक आयले नंतर संसार सांभाळताना कर्म स्वतः खातिर मात्र न्हंय तर तें समाज, गुरु आनि देवाले खातिर करचें दायित्व आसता – ''जायमानो वै ब्राह्मणस्त्रिभिऋणान् जायते ब्रह्मचर्येण ऋशीभ्यो यज्ञेन देवेभ्यः प्रजया पितृभ्यः एष वा अनृणो यः पुत्रियज्वा ब्रह्माचारी वासी ॥''. 'ब्रह्मचर्येण ऋशिभ्यो' हें पयलें ऋण ब्रह्मचर्य आनि अध्ययन करनुं ज्ञान–विज्ञान प्राप्त केलिल्यान पूर्ण जाता. 'यज्ञेन देवेभ्यः' हें दुसरे ऋण लोककल्याणा खातिर आपण्याले गुण–स्वभाव आनि धर्माचे यम–नियमांक अनुरूप कर्म यज्ञ–कर्म म्हण्णुं पूर्ण जाता. 'प्रजया पितृभ्यः' हें तिसरे ऋण कुळधर्माचो उत्तरोत्तर अभिवृद्दि खातीर प्रजोत्पादन करनुं पूर्ण जाता. मनुस्मृतींतु सांगल्यां किं मोक्ष प्राप्त जावचाक इच्छा करचे प्रत्येक मनुष्याक हे तीन ऋणांचि दखल घेवचि पडता – ''ऋणानि त्रीन्यापकृत्य मनो मोक्षो निवेशयेत् । अनपाकृत्य मोक्षं तु सेवमानो व्रजत्यधः ॥''. ''वेद शास्त्रं आणि पुराणें । महावाक्यंचि विवरणें । तनुचतुश्टयनिर्सनें । कैसी ते ऐकावें ॥ ऐसें हें अवघेंचि ऐकावें । परंतु सार शोधून घ्यावें । असार तें जाणोनि तें त्यागावें । या नांव श्रवणभक्ति ॥'' (दासबोध).

अर्जुनाले प्रश्न्यांचे उत्तर जें पयलें विस्तारान दिलिलें तें आतां पुनरावर्तन करनुं संन्यास आनि त्याग हांतूतलो सूक्ष्म भेद दाखयत थोडे विचारवंत काम्य कर्म त्याग करचें म्हळयार संन्यास म्हण्णुं मानताचि म्हण्णुं कृष्ण सांगता – ''काम्यानां कर्मणां न्यासं संन्यासं कवयो विदुः । सर्वाकर्मफ़लत्यागं प्राहुस्त्यागं विचक्षणाः ॥''. जीवनांतु कर्म करत नासताना एक क्षण सुद्धां आसचें संभव नाशिल्यान काम्य कर्मांतु दोश आसल्यारियी यज्ञ, दान, तप त्याग करचें न्हंय तर काम्य कर्माचें फ़लाचि अभिलाशा त्याग करचें श्रेयस्कर आसतालें – ''त्याज्यं दोषवदित्येके कर्म प्राहुर्मनीषिणः । यज्ञदानतपःकर्म न त्याज्यमिति चापरे ॥''.

उपनिशद सांगता किं मन म्हळयार संसार आसता – ''चित्तमेव संसारम्'', जे तरेन मन आसता ते तरेन संसार आकार घेता. मनुष्यालें मन अस्थिर मन आसता देकून तागेले विचार बदलत आसताचि, ज्ञानांतु बदल जायत आसता. भूत काळांतल्यान सतत बदलचे, अनेक विचार, संस्कारान संग्रहित जालिले अस्थिर मन न बदलचे सनातान ज्ञान–विज्ञान, अव्यय योग सहज, सरळ स्वीकारू शकचें ना. मनांतु विषयांक लागून बंधन आनि मोक्ष असले विचार जन्म घेतचि – ''समासक्तं यथा चित्तं जंतोर विशयगोचरे । यदि एवं ब्रह्मणि स्यात् तत् किं न मुचेत बंधनात् ॥''. विषयासक्त जावचें म्हळयार बंधनांतु आसचें आनि विषयांतल्यान मुक्त जावचें मोक्ष आसता – ''मन एव मनुष्याणां कारणं बंधमोक्षयोः । बंधाय विशयसंगं मोक्षो निर्विषयम् ।''.

जन्माक आयिले चेरडाक भूत काळांतु कामना पूर्ण जालिलि ना म्हण्णुं दुःख ना, वर्तमान काळांतु कसलेयी इच्छा ना, किंवा भविष्याकाळांतु मेळचें स्वप्न ना. जन्माक आयिले चेरडाले मन शुद्ध आसून कामना,

आकांक्षा ना, वस्तु–पदार्थ संग्रह करना देकून ताका वस्तु–पदार्थ जपून दवरचि चिंता ना, ते नाश जावचें भय ना. जें आसा, माति आसूं किंवा भांगर आसूं, तांतु आसक्ति ना. संसाराचो तापत्रय नाशिल्यान तो निश्चिंत, सुखी आसता. देकून ज्ञानि मनुष्य धन–धान्य, सत्ता–संपत्ति, ज्ञान–विज्ञान, दिलिलें दान आनि कमयिलि प्रतिष्ठेन प्रभावित जाय नासताना स्वतःचे आत्मांतु चेरडा तरेन निर्विशय, निर्विचार, स्वस्थ, शांत आसता – ''तस्माद् ब्राह्मणः पांडित्यं निर्विद्य बाल्येन तिश्ठासेत् ।''.

जे तरेन मन आसता ते तरेन संसार आकार घेत आशिल्यान जे तरेन युग युगांतु संसार बदलता ते तरेन ते युगाचि सनातन 'अव्यय योग' ग्रहण करचि संवेदन शक्ति शिथिल, सढळ, दुर्मेध जाता. प्रत्येक युगांतु समाजांतलि अस्थिरता वेग–वेगळे तरेन प्रभावित जायत आशिल्यान परमात्मालि शक्ति, ऊर्जा सिश्टींतु एकचि तरेन सृजन करना, वेग–वेगळे युगांतु, वेग–वेगळे तरेन, वेग–वेगळे माध्यमांक सृजन करनुं सृजन करत आसता. देकून पुरातन काळांतु पयलें मत्स्य, कूर्म, वराह, नारसंह, नंतर वामन, भार्गव परशुराम, दाशरथि रामचंद्राक सृजन करनुं द्वापर युगांतु परमात्मालि सृजन शक्ति कृष्ण रूपांतु अवतरलि म्हण्णुं ति तेचि रूपान कळिकाळांतु अवतरतालि म्हण्णुं मानचें अनुचित आसतालें.

अव्यय योग परत सांगचो प्रसंग आनि संधर्भ अर्जुनाक समजलो ना. पुण कौरव–पांडवां मदलो भौतिक पातळी वयलो संघर्ष आनि थंय अर्जुनाले मनांतु भौतिक पातळीवयर निर्माण जालिलो प्रसंग आनि संधर्भ सनातन अव्यय योग अध्यात्मिक पातळीवयर प्रस्थ्हपित जावचाक योग्य म्हण्णुं समजून कृष्णालें प्राकृतिक रूप माध्यम रूपान आनि अर्जुनालें रूप निमित्त म्हण्णुं सृजन जालिलें आसा हें कृष्ण समजतालो. देकून कृष्ण अर्जुनाक 'भरतसत्तम' – भरतकुळांतालो श्रेष्ठ, 'पुरुषव्याघ्र' – पुरुषांतु शूर म्हण्णुं संभोधन करनुं 'अव्यय योगाचें' ज्ञान–विज्ञान निरूपण करचाक योग्य मनुष्य म्हण्णुं निदर्शन करत म्हणता – ''निश्चयं शृणु मे तत्र त्यागे भरतसत्तम । त्यागो हि पुरुषव्याघ्र त्रिविधः संप्रकीर्तितः ॥''. अर्जुनलो मित्र–सखा कृष्ण आसा म्हण्णुं तो श्रेष्ठ ना तर अध्यात्मिक ज्ञान–विज्ञान प्राप्त करचाक ताणें कृष्णाक गूरु म्हण्णुं मान्य करनुं संसारांतु एक महत्वाचो आदर्श जालो म्हण्णुं तो श्रेष्ठ मानचांतु आयलो. देकून जें कृष्ण आतां अर्जुनाक सांगता तें सर्वांक तांगेलें जीवन बदलनुं मानसिक पातळीवयर एक क्रांति निश्चित निर्माण जातालि.

कृष्ण भौतिक पातळीवयर यज्ञ, दान, तप किंवा त्याग करचांतु येवचें कर्मकांड नाकारना. ''यज्ञदानतपःकर्म न त्याज्यं कार्यमेव तत् । यज्ञो दानं तपश्चैव पावनानि मनीषीणाम् ॥'' म्हण्णुं मनांतु विशय वासना, लोभ आनि कर्मफ़लाचे आसक्तीन करचे यज्ञ, दान, तप किंवा त्याग नाकारता.कर्म प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाक लागून जायत आशिल्यान आनि कर्म करत नासताना, कर्म केले शिवाय मनुष्याक एक क्षण सुद्ध जीवित आसचें शक्य नाशिल्यान जें कर्म नित्य निरंतर करता किंवा त्याग करता तें मनुष्यान विवेक बुद्धि वापरनुं करचाक जाय. कारण विवेक बुद्धि वापरत नासताना, गुण स्वभावाचे विपरीत कर्म करचें किंवा करत नासताना आसचें, त्याग करचें परिणाम विपरीत आसताचि. पुण भौतिक पातळीवयर केलिलो यज्ञ, देवतेक दिलिलि आहुति, हवि रूपान दिलिलें अर्घ्य, जनांक दिलिलें दान, श्रम घेवनुं केलिले तप तेन्नांचि सफ़ल जाता जेन्नां सर्व मन शुद्ध आनि अंतःकरण पवित्र करनुं सर्व दोष नाश आनि धारणा धृढ जालिल्यान अध्यात्मिक पातळीवयर तें कर्म योग्य माध्यम जाता. देकून फ़लासक्त जाय नासताना करचें कर्म सर्वांतु श्रेष्ठ हें कृष्णालें निश्चित मत आसा – ''एतान्यापि तु कर्मणि संगं त्यक्त्वा फ़लानि च । कर्तव्यानीति मे पार्थ निश्चित मतमुत्तमम् ॥''.

कृष्णान संन्यास आनि त्याग हांतूत केलिलें सूक्ष्म विष्लेषण समजून घेवचाक जाय. कृष्ण सांगता किं जे तरेन मोहाक लागून शास्त्रांतु सांगिल्ले कर्म त्याग करचें हें अविवेकी मनुष्यालें तामसिक लक्षण जावनुं आसता, जे तरेन शरीराक श्रम पडता म्हण्णुं कश्टदायक कर्म त्याग करचें राजसिक आसता. आसक्ति सोडनुं जें आवश्यक कर्म करचांतु येता ते सात्विक कर्म आसता – ''नियतस्य तु संन्यासः कर्मणो नोपपद्यते । मोहात्तस्य

परित्यागस्त मानसः परिकीर्ततः ॥ दुःखमित्येव यत्कर्म कायक्लेशभयात्त्यजेत् । स कृत्वा राजसः त्यागं नैव त्यागफ़लं लभेत् ॥ कार्यमित्येव यत्कर्म नियतं क्रियतेऽर्जुन । संगं त्यक्त्वा फ़लं चैव स त्याग सात्विको मतः ॥''.

कृष्ण सांगता किं जो मनुष्य सेवा करनुं प्रतिरूपान आभार प्रदर्शनाचि, दान दिवनुं प्रतिरूपान कृतज्ञतेचि, तप करनुं प्रतिरूपान फ़लाचि अपेक्षा करना ते मनुष्याले कर्म श्रेयस्कर आसता. देकून ज्ञानी मनुष्य मनांतल्यान सर्व आसक्ति विरक्ति विसर्जन करनुं मेधावी आसून तागेले सर्व संशयांचे निरसन जाता – ''न द्वेष्ट्यकुशलं कर्म कुशले नानुषज्यते । त्यागी सत्त्वसमाविष्टो मेधावी छिन्नसंशयः ॥''.

संसारांतले सर्व कर्म साधारणतः मनांतु भूत काळांतु संग्रहित जालिले विचार, आचार, संस्कार आनि भविष्य काळांतु अपेक्षित आशिल्ले इच्छा, कामना स्वप्नांक लागून इश्ट, अनिश्ट आनि मिश्र हे तरेन प्रभावित जायत आसताचि – ''अनिश्टमिश्टं मिश्रं च त्रिविधं कर्मणः फ़लम् । भवत्यत्यागिनां प्रेत्य न तु संन्यासीनां क्वचित् ॥''. अहंकाराक लागून शरीरान करचे कर्म त्याग करचें सामान्य जनांक शक्य जायना. त्याग केलो पुण अहंकार नाश जालो ना तर केलिलो त्याग फ़लद्रूप जाय नासताना तो त्याग व्यर्थ आसतालो. देकून कर्म केलिल्यान जें फ़ल प्राप्त जाता तें जे त्याग करताचे ते निश्चित त्यागी आसता – ''नहि देहभृता शक्यं त्यक्तुं कर्माण्यशेषतः । यस्तु कर्मफ़लत्यागी स त्यागीत्यभिधीयते ॥''. जे कोणांलो अहंकार पिकिले आंब्यातरेन झाडावयल्यान पडचाक तयार ना तो पर्यंत अहंकार त्याग केलिलें समर्पित जायना. देकून ज्ञानी मनुष्य हे द्वंद्व प्रभावांचे पेलतडेन वचून वर्तमान काळांतु, हेचि क्षण, हांगा धर्म यम नियमांक अनुसरून कर्म करत अनुभव घेवचाक सतत प्रयत्न करत आसता.

स्रिस्टि निर्माण जाले नंतर मनुष्याक आपण्याले कर्म करचाक प्राप्त जावनुं आशिल्ले साधन कृष्ण आतां विस्तारान निरूपण करता – ''पंचैतानि महाबाहो कारणानि निबोध मे ।''. शरीर, शरीरांतलो आत्मा, पांच ज्ञानेंद्रियं, पांच कर्मेंद्रियं आनि अदृश्य दिव्य शक्ती ही तीन कारण रूपान उपलब्ध जालिलिं आसताचि – ''अधिष्ठानं तथा कर्ता करणं च पृथग्विदम् । विविधाश्च पृथक्चेष्टा दैवं चैवात्र पंचमम् ॥''. अदृश्य दिव्यशक्तीचें वर्णन करताना संत ज्ञानेश्वर म्हणताचि – ''ऋतुओमें शरद सुंदर । शरदमें भी है सुधाकर । उसनें है योग धनुर्धर । पूर्णमाका ॥ .. नाना कमलसे धनुर्धर । विकसन होता है सुंदर । उसमें भी होता है उभार । परागका ॥ .. इंद्रिय मंडलका वैभव । शृंगार एक ही है पांडव । वह है जो अधिष्ठात्री देव । अनुकूलतम ॥ ..वैसा है देववृंद अर्जुन । कहा पांचवा कर्म कारण । जानना यहां ऐसा श्रीकृष्ण कहता है हो कारण ॥''.

स्रिश्टींतु जन्माक आयिलो पासून मरण येवचें पर्यंत जें कांय बरें–वायट, पाप–पुण्य, श्रेय–प्रेय, योग्य–अयोग्य घटना घडता, घडचाक, घडताना, कार्य करता, करचाक, कार्य करताना शरीरांतलो आत्मा शरीर, पांच ज्ञानेंद्रियं, पांच कर्मेंद्रियं आनि अदृश्य दिव्य शक्ती माध्यम म्हण्णुं वापरचांतु आयले शिवाय कांयी घडना; कांयी करचांतु येना – ''शरीरवांग्मनोभिर्यत्कर्म प्रारभते नरः । न्याय्यं वा विपरीतं वा पंचैते तस्य हेतवः ॥''. सर्वांतर आशिल्लो आत्मा खरो कर्ता जावनुं आसता म्हण्णुं मनुष्य जो मान्य करना तो निश्चित अज्ञानी, मूर्ख आसता – ''तत्रैव सति कर्तरात्मानं केवलं तु यः । पश्यत्यकृतबुद्धित्वान्न स पश्यति दुर्मतिः ॥''.

जेन्नां जें कांय घडता, जें कांय करचांतु येता तें सर्व शरीरांतु आशिल्ले आत्माक लागून घडत आसता, करचांतु येता म्हण्णुं हे तरेन मनुष्य जाणता तेन्नां तो शरीर, पांच ज्ञानेंद्रियं, पांच कर्मेंद्रियं हे कारणांक, घटना आनि कार्याक लागून प्रभावित जाय नासताना नित्य अकर्ता जावनुं आसता. जरी युद्धांतु अनेक सैनिक मरताचि, मरताले तरियी तागेले मरणाक तो कारण न्हंय, ताणें कोणांकयी मारिल्ले नाशील्यान ते सर्वांले मृत्यूचो दोश, पाप ताका लागचें नाशिल्यान तो कसलेयी बंधनांतु अडकचो ना – ''यस्य नाहंकृतो भावो बुद्धिर्यस्य न लिप्यते । हत्वाऽपि स इमांल्लोकान्न हंति न निबध्यते ॥''.

''मथकर निकला जो नवनीत । फ़िर छासमें डाला ति पार्थ । रहता है जिस भांति अलिप्त । उसी प्रकार ॥ जैसे जो अग्नि काष्टमें रहता । जब वह काष्ठसे भिन्न होता । फ़िर काष्ट पेटमें रहता । सिकुड करके ॥'' (ज्ञानेश्वर).

ज्ञानी मनुष्यालें बुद्धि द्वंद्वातीत आसता – ''न देख कर सूर्यने कभी अंधार । नाश किया कहना कैसे धनुर्धर । अब ज्ञानीयोंका नही कुछ दुसरा । कहेगा क्या ॥ .. आगका आगसे स्पर्श होकर । कौन जलेगा कहो धनुर्धर । अपने आपको है हाथियर । चुभेगा क्या ॥ वैसे जो आपनेसे कुछ भिन्न । न मानता कर्म मात्र अर्जुन । नही होगी उसकी बुद्धि जान । लिप्त कभी किसीसे ॥ इसीलिये कार्य कर्म क्रिया । आपना रूप जिसका भया । नहीं देहादिक धनंजय । न रहा कर्म–बंध ॥ .. तभी आत्माका जो केवल । रूप ही हुवा है निखिल । उसको नहीं बंदिशाळ कर्मकी कभी ॥''. (ज्ञानेश्वर).

''ज्ञानं ज्ञेयं परिज्ञाता त्रिविधा कर्मचोदना । करणं कर्म कर्तेति त्रिविधः कर्मसंग्रहः ॥ ज्ञानं कर्म च कर्ता च त्रिधैव गुणभेदतः । प्रोच्यते गुण संख्याने तथावच्छृणु तान्यापि ॥'' – ज्ञानं – जें जाणचें आसता, ज्ञेय – जाणचि क्रिया आनि परिज्ञाता जो जाणनुं घेता हे तिग्गांचे संयोगाक लागून मनुष्य संसारांतु करचें कर्म, करचि क्रिया आनि कारणरूपान मनुष्य अभिव्यक्त जायत आसता म्हण्णुं कृष्ण सांगता. ''एक ही अमृत फ़ल जैसे । इंद्रियोंको भिन्न रूपसे । रस वर्ण गंध स्पर्शसे । मिलाता है ॥ .. ज्ञाताको जिस समय ज्ञान । करत है अल्पसा दर्शन । स्वीकार या तजनेमें अर्जुन । होत प्रवृत्त ॥'' (ज्ञानेश्वर). ''यहां ज्ञाता ज्ञान और ज्ञेय । ये है कर्मके प्रवृत्तित्रय । वैसे हि कर्ता कारण कार्य । कर्म संचय यह ॥ .. वैसे कर्म क्रिया कारण । कर्मका रहा है जीवन । जैसे सुवर्ण ही जीवन । स्वर्णमात्रका ॥ इसीलिये यह कार्य मै कर्ता । ऐसे भाव यहां है पांडुसुता । वहां भी आत्मा दूरहि रहता । सभी क्रियाओंसे ॥ इसीलिये जान तू अर्जुन । आत्मा रहता कर्मसे भिन्न । जाने दे अब यह कथन । सुनेगा कितना तू ॥'' (ज्ञानेश्वर).

मनुष्यालो संसार म्हळयार एकमेकांले भितर शरीरांतु परमात्माले आंश रूपान अदृष्य आशिल्ले आत्मांचो अध्यात्मिक पातळीवयरचो संयोग न्हंय तर एकमेकांले भायर दृष्य रूपान आशिल्ले आप्त–बांधव, सगे–सोयर्यांले शरीर, कुळ, समाज, राष्ट्र, विश्व, विचार, आचरण, संस्कारंचो भौतिक पातळीवयरचो संबंध आशता. परमात्मालो साक्षात्कार अध्यात्मिक पातळीवयर तेन्नांचि संभवता जेन्नां शास्त्रांतले ज्ञान–विज्ञानाक लागून भौतिक पातळीवयलो संसार सावकाश सावकाश विरघळत अखेरीक विसर्जन जाता.

अध्यात्माचो प्रवासाचि सुरवात भौतिक पातळीवयर दृश्य स्थूल शरीर आनि वस्तु–पदार्थांक माध्यम करनुं जायत आसल्यारियी प्रवासाचि अखेरचें लक्ष्य शरीरांतले भितर अंतरंगांतु अदृश्य रूपान आशिल्ले अध्यात्मिक सत्य, परमात्मालो साक्षात्कार प्राप्त जालिल्यान पूर्ण जाता हें विसर न्हंय. किंबहुना संसार चक्राचे वर्तुळ भौतिक पातळीवयर ज्ञानं – जें जाणचें आसता, ज्ञेय – जाणचि क्रिया आनि परिज्ञाता जो जाणनुं घेता हे तिग्गांचे संयोगाक लागून सुरु करनुं अध्यात्मिक पातळीवयर स्वतःचे शुद्धस्वरूप ज्ञान–विज्ञानान स्वाभाविक द्रश्टा, साक्षी रूपान परिपूर्ण आशिल्ले आत्माक माध्यम करनुं परमात्माले साक्षाताकारान पूर्ण करचें आशता. वर्तुळांतु जें घडत आसता, तें घडत आसता देकून जें घडत आसता तें सर्व अहंकार नासताना तटस्थ असून पोळोवचाक जाय.

जें ज्ञान वेग–वेगळे रूप–आकारांतु विभक्त रूपान व्याकृत जालिलें आसल्यारियी परमात्मालें अविनाशी, अद्वितीय, अदृश्य, अविभक्त, अव्याकृत अस्तित्वाचे दर्शन घडयता तें सात्विक ज्ञान आसता – ''सर्वभूतेषु येनैकं भावमव्ययमीक्षते । अविभक्तं तु विभक्तेषु तज्ज्ञानं विद्धि सात्विकम् ॥''. जें कर्म आकर्शण–विकर्षण, यश–अपयश, फ़लाचि आशा नासताना धर्माचे यम नियमांक अनुसरून करचांतु येता, तें सात्विक कर्म आसता. जो मनुष्य अहंकारान किंवा यश–अपयशान प्रभावित जाय नासताना अनासक्त बुद्धीन, धैर्य आनि उत्साहान कर्म करता तो सात्विक कर्ता आसता. जी बुद्धि कर्म–अकर्म, धर्म–अधर्म, भय–अभय, बंधन–मोक्षांतलो भेद जाणता ती सात्विक बुद्धि आसता. जी धारणा मन, वाणी, प्राण आनि इंद्रियां वयर संयम दवरनुं अव्यभिचारी आसता ती सात्विक धारणा आसता. जें सुरवातीक श्रम, त्रास दीवचें वीश आनि अखेरीक शांत, समाधान दिवचें अमृत आसता तें सात्विक सुख आसता.

जें ज्ञान स्रिश्टींतलें प्रत्येक रूप–आकारांक एकमेकां पासून भिन्न, वेग–वेगळे विभाजन जालिलें स्थितींतु दाखयता तें राजसिक ज्ञान आसता. जें कर्म अहंकारान, श्रम, परिश्रम घेवनुं फ़लाचे आसक्तीन करचांतु येता तें राजसिक कर्म आसता. जो मनुष्य फ़लाचे आसक्तीन, लोभान, दुसर्यांक कश्ट दीवनुं, अशुद्ध अचरणेन, हर्ष–शोकान प्रभावित जावनुं कर्म करता तो राजसिक कर्ता आसता. जी बुद्धि धर्म–अधर्म, कर्म–अकर्म विवेक वापरनुं निर्णय करूं शकना ती राजसिक बुद्धि आसता. जी धारणा धर्म, काम, अर्थाचे आसक्ति आनि फ़लप्राप्ती खातिर आसता ती राजसिक धारणा आसता. जें सुरवातीक इंद्रिय आनि विषयांचे संयोगान अमृत आसता आनि अखेरीक वीश आसता तें राजसिक सुख आसता.

जें ज्ञान एक रूप–आकार, वस्तु–पदार्थ आकर्शक आनि अन्य सर्व विकर्षक, अयथार्थ, क्षुद्र मानता तें तामसिक ज्ञान आसता. जें कर्म अज्ञानाक लागून परिणाम, हानि, हिंसा किंवा स्वतःचे क्षमतेचि दखल घेत नासताना केवल अविचारान करचांतु येता तें तामसिक कर्म आसता. जो कर्ता असंतुलित, असंस्कृत, घमेंडी, धूर्त, विक्षिप्त, आळसी आसता तो तामसिक कर्ता आसता. जी बुद्धि अज्ञानाक लागून अधर्म आशिल्लें धर्म म्हण्णुं समजता, शास्त्राचो विपरीत अर्थ करता ती तामसिक बुद्धि आसता. जी धारणा दुश्ट बुद्धि नीद्रा, भय, चिंता, विषादाक लागून उन्मत्त आसता ती तामसिक धारणा आसता. जें निद्रा, आलस्य आनि सुस्तीक लागून सुरवाती पासून अखेर पर्यंत संभ्रमांतु घालता तें तामसिक सुख आसता.

मनुष्यालें मन आनि कर्म तागेलो गुण स्वभावान प्रभावित आसता – ''प्रकृते क्रियमाणानि गुणैः कर्माणि सर्वशः ।'' म्हण्णुं कृष्णान पयलेंचि सांगिल्लें आसा. देकून जो पर्यंत मनुष्य स्थूल शरीर माध्यम म्हण्णुं वापरता तो पर्यंत ते स्थूल शरीरांतलो गुण स्वभावांक लागून तागेलें कर्म निर्भर आसता. किंबहुना इहलोकांतु किंवा स्वर्गलोकांतु असलो कोणींयि मनुष्य किंवा देव ना जो हे तरेन प्रकृतिजन्य गुणांक लागून प्रभावित जालिलो ना – ''न तदस्ति पृथिव्यां वा दिवि देवेशु वा पुनः । सात्वं प्रकृतिजैर्युक्तं तदेभिःस्यात्रीभिर्गुणैः ॥''. ''ऊनके बिना कहीं कंबल । मृत्तिका बिन कर्दम गोल । अथवा जल बिन कल्लोल । होता हो क्या ॥ वैसे कही गुणके बिन। नही है सृश्टीकि रचना । ऐसे नहीं हुवा अर्जुन । प्राणि जातमें ॥'' (ज्ञानेश्वर).

देकून परमात्मान पूर्वकाळांतु – ''चातुर्वर्ण्यं मया सृश्टं गुणकर्मविभागशः । तस्य कर्तारमपि मां विध्यकर्तारमव्ययम् ॥'' गुण स्वभावाक अनुरूप कर्म विभाजन केलिलें वर्णाश्रमाचि व्याख्या परमात्माले भूमीकेएवयल्यान करनुं आतां कृष्ण – ''ब्राह्मणक्षत्रियविशां शुद्राणां च परंतप । कर्माणि प्रविभक्तानि स्वभावप्रभवगुणैः ॥'' म्हण्णुं तांगेले गुणांचो प्रभाव तांगेलो स्वभाका लागून आसता म्हण्णुं सांगता.

परमात्मान स्रिश्टी निर्माण केलिलें तेन्नां सत्व, रज आनि तम गुण स्वभाव शुद्धस्वरूप, परिपूर्ण आशिल्लें. पुण नंतर शुद्धस्वरूप, परिपूर्ण आशिल्ले गुण स्वभाव निर्माण जालिलें घटकां वयर इंद्रियांचे प्रभावाक लागून वेग–वेगळे प्रमाणान मिश्रित रूपान व्यक्त जावनुं जो गुण जास्त प्रभावित आसता ते तरेन मनुष्य संसारांतु वागता. सात्विक गुणान प्रभावित जालिलो मनुष्य आपण्याले विवेक बुद्धीक लागून जाणता किं आपूण अंधःकारांतु आसा, प्रकाशाचे दिशेन वच्चें आसा, अढथळे आसाचि, अडथळे पार करचें आसा म्हण्णुं उर्ध्वगतीचे दिशेन प्रवास करचाक प्रवृत्त जायत आसता. जाका लागून तागेलो राजसिक आनि तामसिक गुणांचे प्रमाण कमिं जायत आसता. देकून प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाक लागून कर्म करनुं यश प्राप्त करचें अपेक्षित आसता – ''स्वे स्वे कर्मण्यभिरतः संसिद्धीं लभते नरः ।''.

वर्णाश्रम गुण–स्वभावाक लागून आसता, जन्म घेतिलें कुळाक लागून न्हंय. देकून एक मनुष्यालो पूर्व जन्म ब्राह्मण कुळांतु जालिलो आसल्यारियी केलिलें कर्माक लागून पुनर्जन्म क्षत्रिय, वैश्य किंवा शूद्र कुळांतु आसू शकता. पूर्व जन्मांतु कर्मानुसार क्षत्रिय, वैश्य किंवा शूद्र कुळांतु जन्म घेतिलो मनुष्यालो पुनर्जन्म ब्राह्मण कुळांतु आसू शकता. देकून वेद आनि उपनिषद काळांतु मनुष्य खंयचेयी कुळांतु जन्म घेतल्यारियी ते तांगेलो गुण स्वभावाक लागून ब्राह्मण, क्षत्रिय, वैश्य आनि शूद्र म्हण्णुं तांगेलो वर्ण निश्चित जायत आसता. क्षत्रिय

कुळांतु जन्माक आयिलो मनुष्य ब्राह्मणाले सात्विक गुण स्वभाव आनि तेजान प्रभावित जालिले दृश्टांत आसाचि. परशुराम ब्राह्मण कुळांतु जन्माक आयिलो आसल्यारियी तो क्षत्र गुण स्वभावाक लागून प्रख्यात जालो. विश्वामित्र क्षत्रिय कुळांतु जन्माक आयिलो आसल्यारियी तो ब्रह्म गुण स्वभाव आनि तेजाक लागून ऋशि जालो. उपनिशद काळांतु श्वेतकेतु आनि तागेलो बापय ब्राह्मण कुळांतु जन्माक आयिलो आसल्यारियी ज्ञान–विज्ञान प्राप्त करचाक क्षत्रिय कुळांतु जन्माक आयिले प्रवाहन जैवलि कडेन वच्चें पडलें. वाल्या कोळी आनि द्वैपायन कृष्ण शूद्र आवयले पोटांतु जन्माक आयिले आसल्यारियी आपण्याले ज्ञान–विज्ञानाचे प्रतिभेक लागून ब्राह्मण जाले. हे तरेन प्रत्येकांलो जन्म पूर्व जन्मांतु केलिले कर्मानुसार ब्राह्मण, क्षत्रिय, वैश्य किंवा शूद्र कुळांतु जाल्यारियी जें कर्म ताणिं वर्तमान जन्मांतु करचे आसता तें तांगेले प्रकृति जन्य गुण स्वभावाक लागूनचि करचें आवश्यक आसता. होचि आसता कृष्णान सांगिल्लो वर्णाश्रम धर्म.

कृष्ण म्हणता किं विंग–विंगड प्रकाराचे कर्म केलिल्यान मनुष्याक सिद्धि प्राप्त जायना तर मनुष्यान आपण्याले स्वाभाविक गुण स्वभावाक अनुरूप कर्म केलिल्यान ताका विशाल, विराट, विस्तीर्ण आनि व्यापक परमसिद्धि निश्चित प्राप्त जातालि – ''यत: प्रवृत्तीर्भूतानां येन सर्वमिदं ततम् । स्वकर्मणा तमभ्यर्च्य सिद्धिं विंदति मानव: ॥''. ''अपना विहित कर्म तजकर । दुसरोंका भला जो अपनाकर । जैसे पैरोंसे चलना छोडकर । चलता सिरसे ॥'' (ज्ञानेश्वर). जें घडता तें अकारण घडना. जन्म–जन्मांतले वासना, इच्छा, कामना, आकांक्षा, विचार, आचार, संस्कारांक लगून न्हंय तर गुण स्वभावाक अनुरूप कर्म वर्तमान जीवनांतु केलिल्यान ते घटकाचें प्रारब्ध कर्म, पुनर्जन्म  निश्चित जाता. जर इंद्रियान प्रभावित जावनुं प्रकृतिजन्य गुण स्वभावांचे विपरीत कर्म करचांतु आयलें तर विकास अधोगतीचे दिशेन आसतालो. कारण प्रकाश उपस्थित थंयीचि आसता खंय ज्ञान उपलब्ध आसता. आनि खंय अंध:कार आसता थंय अज्ञानाचि उपस्थिति आनि ज्ञानाचि अनुपस्थिति आसता.

देकून मनुष्यान आपण्यालो गुण स्वभाव सदोश आसल्यारियी सोडचो न्हंय, दुसर्यालो गुण स्वभाव आकर्शक आसल्यारियी स्वीकारचो न्हंय, कारण दुसर्यालो गुण स्वभाव अपरिचित आशिल्यान धोखादायक आसू शकता – ''श्रेयान् स्वधर्मो विगुण: परधर्मात् स्वनुष्ठ्तात् । स्वभावनियतं कर्म कुर्वन्नाप्नोति किल्बिषम् ॥ सहजं कर्म कौंतेय सदोषमपि न त्यजेत् । सर्वारंभा हि दोषेण धूमेनाग्निरिवावृता: ॥''. स्वकर्म तें आसता जें स्वत:चे गुण स्वभावाक अनुरूप आसता. स्वकर्म आचरणेंतु हाडताना कांयि कमीं जाल्यारियी तांतूत कांयी अपाय ना. परधर्म म्हळयार दुसर्याले कर्म, जें आकर्शक आसल्यारियी आपण्याले गुण स्वभावाचे विपरीत आशिल्लें दुसर्याले कर्म स्वीकारचें धोखादायाक आसता. देकून जो भाव जास्त प्रभावित आसता ते गुणाक अनुसरून, कसलेयी घृणा करत नासताना अनासक्त बुद्धीन जनता जनार्दन, लोककल्याणा खातिर कर्म करचें अपेक्षित आसता.

संसारंतले द्वैत भावनेन प्रभावित जायत विकल्प किंवा पर्याय शोधचो तामसिक मनुष्य अधोगतीचे दिशेन वचत आसता. तामसिक मनुष्य इंद्रियां वयर नियंत्रण नासताना विषय वासनेन आसक्त जावनुं गुण स्वभावाक लागून वेग–वेगळे विकल्प किंवा पर्याय शोधता. देकून विवेक बुद्धीन प्रभावित जालिलो मनुष्यान आपण्याले इंद्रियां वयर नियंत्रण दवरनुं अनासक्त बुद्धीन  आपण्याले गुण स्वभावाक लागून कर्म केल्यार स्वधर्म, परम सिद्धि निश्चित प्राप्त जातालि – ''आसक्तबुद्धि: सर्वत्र जितात्मा विगतस्पृह: । नैष्कर्मसिद्धिं परमां संन्यासेनाधिगच्छति ॥''. ''शिला या साथ लिया पाथेय । एक ही भार है धनंजय । विश्रांतिमें जो सुखका होय । लेना है वही ॥ .. दधि अतथा जलका मंथन । व्यापार जैसा एक समान । वालू तथा तिलोंका पेरना । एकही जैसा ॥ .. वैसे कभी कोई कर्म । नही होता बिना श्रम । तब है विहित कर्म । करना क्या बुरा ॥ लेनेसे जब अ;प अमृत । मिलता हओ अमर जीवित । तब सर्वस्व देनेमें पार्थ । जाता क्या अपना ॥''(ज्ञानेश्वर).

स्रिश्टि व्यवस्थित दवरनुं विकसित आनि अभिवृद्ध करचि जवाबदारी केवल परमात्मालि न्हंय तर स्रिश्टींतले प्रत्येक घटकांचि आसता. देकून मनुष्य आअपून कोण आसा, खंय आसा, खंयचान आयला, खंय

वच्चो आसा हें जाणून घेवनुं आपण्यालो धर्म कसलो, ध्येय कसलें, मार्ग खंयचो हें समजून घेवनुं आपण्याले गुण स्वभावाक लागून कर्म करचें अपेक्षित आसता. सर्व कर्म अग्नि धुंवरान पांघुरिले तरेन सर्व कर्म दोषान पांघुरिले आशिल्यान कर्म करताना श्रम घेवचे पडलें तर श्रम घेवचे पडतालें, कश्ट सोसचें पडलें तर कश्ट पडतालें. मार्गावयर अंध:कार आसल्यार, अढथळे आसल्यार, अपयश आसल्यार घाबरचें आवश्यक ना.

धार्मिक मनुष्यालि व्याख्या मानवधर्म आनि ते अनुशंगान परमात्माक समर्पित जालिलो व्यक्तीक उद्देशून आसतालि. ध्यानांतु दवरका किं जो सात्विक मनुष्य स्वधर्म आचरण करनुं उर्ध्व गतीचे दिशेन वचून परमात्माक समर्पित जालिलो आसता ताका स्वतंत्र विकल्प किंवा पर्याय आवश्यक नांचि. कारण जें घडचें आसता तें घडचेंचि आसता. जें जावचें आसता तें पयलेंचि निर्धारित आसता म्हण्णुं कृष्ण म्हणता – ''मयैवैते निहता: पूर्वमेव निमित्तमात्रं भव सव्यसाचिन् ॥''. तो थंय वता खंय ताका परमात्मा व्हरता. जें तो करता, जें करचें पडता, तें सर्व परमात्माचि करोवनुं घेता. देवताकार्य पूर्ण करताना जर ताका भीष्म–द्रोणां तरेन कौरवांले बाजून युद्ध करचें आसा तर तो कौरवांले बाजून युद्ध करचाक उभो आसता. जर ताका पांडवाले बाजून युद्ध करचें आसा तर तो द्रुपद, विराट, धृश्टकेतु, काशीराजा तरेन पांडवाले बाजून युद्ध करचाक उभो आसता. सर्वांलो मानवधर्म एकचि आसता. जेन्नां साधकाक स्वत:चो स्वधर्म आनि स्वकर्म समजचांतु येतालो तेन्नां ताका तोचि मानवधर्म जावनुं आसतालो.

कृष्ण आनि अर्जुनालो संबंध केवल गुरु शिष्यालो न्हंय तर दोन मित्रांलो आशिल्लो. देकून जें अंतर गुरु शिष्याले मदें आसता तें अंतर कृष्ण आनि अर्जुनाले मदें नाशिल्लें. देकून जें पयलें विस्तारान सांगले तें परत परत सांगचाक कृष्णाक श्रम पडलें ना, त्रासा जालो ना. परत परत सांगताना अर्जुनले विशय आशिल्ल्लो मोग वढत गेलो. देकून जें विस्तारान सांगिल्ले तेंचि आतां 'समासेन' म्हळ्यार परत संक्षेपान, सारांश रूपान सांगलें – ''सिद्धिं प्राप्तो यथा ब्रह्मतथाऽऽप्नोति निबोध मे । समासेनैव कौंतेय निष्ठा ज्ञानस्य या परा ॥''. कृष्ण आनि अर्जुनाले मदलो संवाद दोन मित्रां मदलें संभाषण आसाल्यारियी जे मुद्दे ते संभाशणांतल्यान व्यक्त जाले ते इतले महत्वाचे आशिल्ले किं ते अन्य जनांले खातिर अध्यात्माचो उपदेश जालो. देकून तो संवाद, संभाषण आयकून अंत:करणांतु सात्विक निष्ठा जागी जाल्यार तो मनुष्य परमात्मालें परम स्थान प्राप्त करचाक सक्षम जालिलो आसता म्हणचाक जाय.

कृष्ण सांगता किं जो मनुष्य आपण्याले इंद्रियां वयर संयम दवरनुं शब्दादि विषय, ममत्व त्याग करता तो अहंकार, बल, दर्प, काम, क्रोध, परिग्रह हे षड्रिपु पासून अलिप्त, बरें–वायट, श्रेय–प्रेय, दर्म–अधर्म असले द्वंद्वाचे पेतडेन गेलिलो आसून तागेलि बुद्धि शुद्ध, पवित्र आनि मन निर्मळ, शांत आशिल्यान तो परमात्मांतु लीन जावचाक सक्षम आसता – ''निर्मम: शांतो ब्रह्मभूयाय काल्पते ॥''.

ताका लागून परमात्मा आसा किं ना हो प्रश्नो ताका सतोवचो ना. कारण परमात्मा आसा म्हण्णुं सांगिल्यान कांय तो मेळचो ना, ना म्हण्णुं सांगले म्हण्णुं सांगिल्यान कांय तो सृजन केले शिवाय आसचो ना. जीवनांतु समदि्रश्टि दवरिल्यान मेळ्ळें म्हण्णुं सुख ना, मेळें ना म्हण्णुं दु:ख ना. विभकत आशिल्लो तो परमत्मांताले अविभक्त अस्तित्वांतु सभक्त जालिल्यान तो परमत्मालें तत्व जाणून परमात्माले नित्य, शाश्वत सुख–समाधा अनुभवता – ''ब्रह्मभूत: प्रसन्नात्मा न शोचति न कांल्षति । सम: सर्वेषु भूतेषु मद्भक्तिं लभते पराम् ॥ भक्त्या मामभिजानाति यावान् यश्चास्मि तत्वत: । ततो मां तत्वतो ज्ञात्वाअ विशते तदनंतरम् ॥''.

''वहां है कर्म और कर्ता । यह सब मिटके पार्था । मैं आत्मा ही मुझ देखता । आपने आप ॥ ... कर्म तब जब मद्रूप बनता । तब वह कुछ करना न होता । उसका नाम ही पूजन हो जाता । यह है रहस्य ॥ .. तब जो बोलता वह स्तवन । जो कुछ देखता वह दर्शन । मेरे अद्वयका होगा गमन । वह जो चलता ॥ वह जो करता वही पूजन । सोचता वह है मेरा स्मरण । ... वैसे ही वेद्यका होत विलय । वेदका ही रहता धनंजय । वही होता है उसको वेद्य । यह भी जानता वह ।'' (ज्ञानेश्वर).

देकून कृष्ण अर्जुनाक आग्रहान सांगता किं ताणें परमात्माक लक्ष्य करनुं, ताणें केलिलें आनि करचें सर्व कर्म मना पासून परमात्माक समर्पण करनुं एकग्रतेन परमात्माले मनन, चिंतन, ध्यान, धारण करचाक जाय. :ऐं तरेन निश्ठेन परमात्माक शरण गेलिल्यान साधक सर्व कठीण अवस्थेंतल्यान सुरळीत पार पडनुं परमात्माले प्रसादाक प्राप्त जातालो, आनि जो अहंकारान हे तरेन समर्पित जायना तो निश्चित नाश जातालो.

किंभहुना अर्जुनान सुद्धां आपूण युद्ध करना म्हण्णुं सांगचे सुद्धां उचित ना इअतलेंचि न्हंय तर एक भ्रम आसतालो. कारण मनुष्य आपण्याले प्रकृतिजन्य गुण स्वभावाक लागून जें कर्म करता तें निमित्त मात्र जावनुं परमात्माले देवताकार्य सफ़ल करचांतु येवचें यज्ञ कर्म म्हण्णुं समभाग जावाचें हांतूतचि तागेलें श्रेय आसता – ‘‘अहंकारमास्रित्य न योत्स्य इति मन्यसे । मिथ्येव व्यवसायस्ते प्रकृतिद्वां नियोक्ष्यति ॥ स्वभावजेन कौंतेय निबद्धः स्वेन कर्मणा । कर्तुं नेच्छसि यन्मोहात् करिष्यस्यवशोऽपि तत् ॥’’.

‘‘प्राचीकि ओर जो प्रवाह बहता । उसमें उलटा ही कोयी तैरता । उसका हठ अवश्य हि रहता । पानी खींचता ओघमेंही ॥ वा कहेगा चावलका दाना । न उगूंगा मैं चावल बना । उसका स्वभाव बदलना । शक्य है क्या ॥ ... विराट राजपुत्र उत्तर । भागा रणभूमीछोडकर । तब लढा तूं ही धनुर्धर इसी स्वभावसे ॥ यह अदृश्टा जो है भिन्न । कराता ईश्वराधीन । यह ईश भो है अर्जुन । ह्रुदयमें तेरे ॥’’ (ज्ञानेश्वर).

कृष्ण सांगता किं संसारा पेक्षां परमात्मा विशाल, विराट आसून सर्व दिशेन, भायर–भितर पसरनुं स्रिश्टि नियंत्रणेंतु दवरचाक साक्षी रूपान जीवांले अंतःकरणातु आसून सूर्याले तरेन संसार चक्रांतल्यान फ़िरयत सृजन करता – ‘‘ईश्वरः सर्वभूतानां हृद्देशोऽर्जुन तिष्ठति । भ्रामयन् सर्वभूतानि यंत्रारूढानि मायया ॥’’. देकून जें घडता तें परमात्माले माया शक्तीक लागून घडत आसता, घडचें अनिवार्य आसता, घडचेंचि आसा. देकून जो मनुष्यान श्रद्धान्वित जावनुं समाजान घालिले सर्व यम–नियमांचे बंधन तोडनुं परमात्माक मनान आनि अंतःकरणान शरण वता तो संसारांतले तापत्रयांतल्यान मुक्त इतलोचि न्हंय तर परमात्मालें परम पद प्राप्त करनुं चिरंतन, शाश्वत परमानंद अनुभवतालो – ‘‘तमेव शरणं गच्छ सर्व भावेन भारत । तत्प्रसादात् परां शांतिं स्थानं प्राप्यसि शाश्वतम् ॥’’.

अर्जुनान प्रश्ने विचारचें स्वाभाविक आसा. कारण अर्जुनाले मनांतलो संघर्ष पूर्ण अरेन शांत जालिलो ना. अर्जुनाले भौतिक पातळिवयर विचारिले प्रश्न्यांक दिलिले उत्तर कृष्णाले वाक्चातुर्याक लागून अर्जुनाक समाधान दिवचे तसले आसताले. पुण अध्यात्मिक पातळीवयर दिलिलें उत्तर समजचाक एक विशिश्ट मानसिक तयारि आनि एक असामान्य संवेदनशीलता आसचाक जाय. किंबहुना कृष्णान अर्जुनाक आपण्यालें अध्यात्मिक रूपमैश्वर्य जें दाखयलें तें अडथळे जावू शाकता हे कृष्ण जाणता. कृष्ण अर्जुनालो गुरु इतलोचि न्हंय तर इश्टमित्र आनि सखा सुद्धां जावनुं आसा. कृष्ण आनि अर्जुनांलो संबंध इतलो घनिश्ठ, आत्मीय आसता कीं ते दोन न्हंय तर एकचि प्राण आशिल्ले तरेन पूर्णत्व युग–युगान् अनुभवत आयल्याचि.

देकून जें कृष्णान अर्जुनाक सांगले तें सर्व गुरून शिष्याक सांगचें गूढ तत्व आसल्यारियी तें सांगताना कृष्ण मित्र म्हण्णुं सांगत आसा. जेन्नां गुरु शिष्याक उपदेश करत आसता तेन्नां गुरु जे तरेन शिष्यालो आदर्श आसता ते तरेन शिष्य सुद्धां विवेक बुद्धि आनि श्रद्धेक लागून गुरूले प्रशंसेक पात्र जाता. प्रवास करताना प्रत्येक प्रसंगांतु सतत, पदो पदी, क्षणान् क्षण मार्ग अर्जुनाक चलचो आसा, कृष्णाक न्हंय. वास्तवांतु मार्गा वयर चलचें किंवा ना म्हण्णुं निर्णय घेवचो अधिकार आनि स्वातंत्र्य अर्जुनाक आसता, कृष्णाक न्हंय. देकून कृष्ण जे सांगचें आसता तें सांगून निर्णय अर्जुनाले वयर सोडत म्हणता – ‘‘इति ते ज्ञानमाख्यातं गुह्याद्गुह्यतरं मया । विमृश्यैतदशेषेण यथेच्छसि तथा कुरु ॥’’.

जें कृष्णान आतां पर्यंत अर्जुनाक सांगिल्लें तें ज्ञान विज्ञान अत्यंत गूढ आशिल्लें – ‘‘सर्वगुह्यतमं भूयः श्रुणु मे परमं वचः । इश्टोऽसि मे धृढमिति ततो वक्ष्यामि ते हितम् ॥’’. महासागरांतु प्रवेश करचाक धडपडचे नदीक सागरंतु प्रवेश केले नंतर आपण्यालेंचि वेगळें आनि स्वतंत्र अस्तित्व स्थापित करचें साध्य ना. ते नदीक

महासागर प्रवेश केले नंतर सागरा तरेन विशाल, विराट, व्यापक, प्रशस्त जावचें अपेक्षित आसता. देकून कृष्ण म्हणता – ''मन्मना भव मद्भक्तो मद्याजि मां नमस्कुरु । मामेश्सत्यं सत्यं ते ते प्रतिजाने प्रियोऽसि मे ॥''.

कृष्ण त्रिकालज्ञानान सक्षम जावनुं आशिल्यान तो जाणता किं जे तरेन उदकान भरिले कळश्यांतु अधिक उदाक घातल्यार कळशो अधिक उदाक स्वीकारचि ना ते तरेन अर्जुनाले मनांतल्यान भूत काळंतल्यान भूत काळंतल्यान भौतिक पातळीवयर गुण स्वभावाक आनि इंद्रियांचे प्रभावाक मनांतु संकलित जालिले विचार, आचार, संसाकार मनांतल्यान विसर्जन जाले शिवाय पुरातन काळांतु परमात्मान निरूपण केलिलो सनातन अयय्य योग परत प्रस्थापित करचाक जावचो ना. किंबहुना कृष्णाक कांयि करचें आसना, अर्जुनान जर समजलें ना तर समजचे तसले शब्दांतु समजायिलें आसा. देकून कृष्णान सांगलें – ''सर्वधर्मान् परित्यज्य मामेकं शरणं व्रज । अहं त्वां सर्वपापेभ्यो मोक्शयिष्यामि मा शुचः ॥''. 'सर्वपापेभ्यो' म्हळयार सामान्य परंपरेक लागून अनैतिक, अधार्मिक वर्तणूक मात्र न्हंय तर सर्व अवगुण, असमर्थता, अपात्रता, दुर्बलता म्हण्णुं समजचाक जाय.

कृष्णान अर्जुनाक मोगाचो आनि इश्ट मित्र म्हण्णुं जे अव्यय योगाचे ज्ञान–विज्ञान निरूपण केलें तें अत्यंत गूढ, गुह्य, रहस्य आशिल्यान तें ज्ञान–विज्ञान जे जनांले मनांतु कृष्णाले विशय आदर, प्रेम, भक्ति ना, श्रवण करचाक उघड ना, श्रधा उरों विश्वास सुद्धां ना,ज्ञान– विज्ञान श्रवण करचें कुतूहल, जिज्ञासा ना, श्रवण करचाक उघड ना, समजावनुं सुद्धां समजचो ना, समजल्यार मान्य जावचें ना, मान्य जाल्यारियी स्वीकारचांतु, आचरणेंतु हाडचांतु येवचें ना असले अपात्र, अधार्मिक, अनैतिक, अनधिकारी तामसिक मनुष्यांक दिवचें न्हंय म्हण्णुं कृष्ण सांगता – ''इदं ते नातपस्काय नाभक्ताय कदाचन । ना चाशुश्रूषवे वाच्यं न च मां योऽभ्यसूयति ॥''.

जर हें सनातन ज्ञान–विज्ञान धार्मिक, नैतिक सात्विक स्वभावचे साधु जनांक प्राप्त जालें तर स्रिश्टी आनि संसार निःसंशय उर्ध्वगतीचे दिशेन उत्तरोत्तर विकसित जाताली म्हळ्ळे आत्मविश्वासान तो सांगता – ''य इमं परमं गुह्यं मद्भक्तेष्वभिधास्यति । भक्ति मयी परां कृत्वा मामेवैष्यत्यसंशयः ॥''. आनि जो हे तरेन माध्यम रूपान कृष्णार्जुनालो हो संवाद तिरस्कार करत नासताना सर्व संसारांतु पसरायता तो संसारांतल्यान मुक्त जावनुं सर्वांतु अत्यंत परम पद प्राप्त करनुं परमसुख अनुभवता. कृष्णान जें अर्जुनाक सांगचें आशिल्लें ते सांगलें. देकून जें ज्ञान–विज्ञन दिवचांतु आयलें तें अर्जुनान समजून घेतलें किं म्हण्णुं कृष्ण विचारता – ''कच्चिदेतत् श्रुतं पार्थ त्वयेकाग्रेण चेतसा । कच्चिदज्ञानसंम्मोहः प्रनश्टस्ते धनंजय ॥''.

कृष्णान अर्जुन मोगाचो आनि इश्ट मित्र म्हण्णुं अव्यय योगाचें ज्ञान–विज्ञान निरूपण केलें, आपण्यालें निराकार रूपमैश्वर्य दाखयलें पुण अर्जुनालि प्रतिक्रिया असित, देवल, व्यासांनि परंपरेक लागून सांगिल्ले तरेन कृष्ण साक्शात् परमात्मा आसा म्हण्णुं आनि शास्त्रांतु वर्णन केलिले तरेन तागेले साकार रूपांचे दर्शन घेतलें. आनि कृष्णान शरीर अशाश्वत आनि आत्मा शाश्वत आशिल्यान मनुष्यान आपण्याले गुण स्वभावाक लागून स्वकर्म करचें श्रेयस्कर आसता म्हण्णुं मान्य करनुं इहलोकांतु यश प्राप्त करचे खातिर तो युद्ध करचाक सिद्ध जालिलो क्षत्रिय योद्धा तरेन अभिमानान म्हणालो – ''नश्टो मोहः स्मृतिर्लब्धा त्वत्प्रसादान्मयाऽच्युत । स्थितोऽस्मि गतसंदेहः करिष्ये वचनं तव ॥''.

व्यासांनि ग्रंथित केलिलो कृष्णार्जुनालो संवाद अर्जुनाले हे आस्वासनान सोंपता. व्यासांनि दिलिले दिव्य द्रिश्टी आनि श्रवणशक्तीक लागून सक्षम जालिलो संजय कृष्णार्जुनालो हो अत्यद्भुत संवाद आयकुनुं परत परत स्मरण करनुं शरीर रोमांचित जायत धृतराष्ट्राक ''राजन् संस्मृत्य संस्मृत्य संवादमिमद्भुतम् । केशवार्जुनयोः पुण्य हृष्यामि च मुहुर्मुहुः । तच्च संस्मृत्य संस्मृत्य रूपमत्यद्भुतं हरेः । विस्मयो मे महान् राजन् हृष्यामि च पुनः पुनः ॥यत्र योगेश्वरः कृष्णो यत्र पार्थो धनुर्धरः । तत्र श्रीर्विजयि भूतिर्ध्रुवा नीतिर्मतिर्मम ॥'' म्हण्णुं सांगता. आनि भविष्य वाणि करता किं खंय योगेश्वर कृष्ण आनि धनुर्धर अर्जुन आसता थंय श्री, विजय, यश, कीर्ति, नीति निश्चित आसताली म्हण्णुं दिव्य, परमानंद अनुभवतालो.

कृष्णालों अत्यद्भुत संदेश आयकून मनांतल्यान मोह आनि विशाद नाश जालिलों अर्जुन आत्मविश्वासान भीष्म, कर्ण, जयद्रथ असलें अनेक महारथींक युद्धांताल्यान परवृत करता. आनि कौरवांनि अन्यायान खेंचून घेतिलें राज्य परत जिंकून हस्तिनापुरचें सिंहासना वयर युधिष्ठिरालें खातिर सुरक्षित करता.

०००००



# *उपसंहार*

जेन्नां कृष्णान अर्जुनाक गीतोपदेश केलो तेन्नां तागेंइले मुखार दोन लक्ष्य आशिल्ले. पयलें लक्ष्य अर्जुनाले मनांतलो मोह, विशाद नाश करनुं युद्धांतु कौरवांले वयर विजय आनि युधिष्ठिराक हस्तिनापुरचें सिंहासना वयर बसोवचें आशिल्लें. दुसरें लक्ष्य अर्जुनाले मनांतलें भौतिक पातळीवयलें अज्ञान नाश करनुं थंय अध्यात्मिक ज्ञान–विज्ञान प्रस्थापित करनुं अर्जुनालें जीवन पूर्ण तरेन परिवर्तन करचें आशिल्लें. मनांतलो मोह आनि विशाद नाश जावनुं अर्जुनान युद्धांतु कौरवां वयर विजय आनि हस्तिनापुरचें राज्य प्राप्त केलें पुण गीतोपदेश जालिल्यान तागेलें जीवन परिवर्तन जावचें उरों तागेलें जीवनांतु लाक्षणिक प्रभाव जालिलो दिसून आयलो ना.

कारण जेन्नां युधिष्ठिर संजयाले अभिप्रायानुसर पांडवांनि जर वृश्णि–अंधकांले राज्यांतु भिख मागून जीवन केलिलें आसल्यार आयज तांका युद्ध करनुं कुळ नाश जालिलो दिवस पोळोवचांतु येवचो नाशिल्लो म्हणता तेन्नां अश्चर्यान अर्जुन विचारता किं भिवचे किंवा आलसी मनुष्याक राज्य कसलें प्राप्त जातालें. जर राज्य राज्यलक्ष्मि त्याग करचेंचि आसल्यार राग–रोश करनुं अलौकिक पराक्रम आनि धर्मानुसार शत्रूंक संहार कित्याक केलो ? – ‘‘यत्कृत्वा मानुषं कर्म त्यजेथाः श्रियमुत्तमम् ॥ शत्रून् हत्वा महीं लब्ध्वा स्वधर्मेणोपपादिताम् । एवंविधं कथं सर्वं त्यजेथा बुद्धिर्लाघवात् ॥ क्लीबस्य हि कुतो राज्यं दीर्घसूत्रस्य वा पुनः । किमर्थं च महीपालनवधीः क्रोधमुर्छिताः ॥’’ म्हण्णुं असंतोष व्यक्त केलो. पुण परमात्माले निराकार रूपाचो साक्षात्कार जालिले ऋशीन – ‘‘वेदाहं एतं पुरुषं महांतं आदित्यवर्णं तमसः परस्तात् । तमेव विदित्याति मृत्युं एति नान्य पंथा विद्यते अयनाय ॥’’ म्हण्णुं उद्गार काडिले तरेन सहस्र सूर्य एक क्षण झळकचे तसले कृष्णालें निराकार रूपमैश्वर्य अध्यात्मिक पातळीवयर पळयिले अर्जुनान उद्गार काडले नांचि.

किंबहुना महाभारत युद्ध सोंपले नंतर अस्वस्थ आशिल्लो अर्जुन कृष्ण द्वारकेक परतताना सांगता किं युद्ध सुरु जावचे पयलें निरूपण केलिलो गीतोपदेश ताणें रणांगणाचे संभ्रमाक लागून ध्यान दीवनुं आयकलिलें नाशिल्लो – ‘‘विदितं मे महाबाहो संग्रामे समुपस्थिते । माहात्म्यं देवकीमातस्तच्च ते रूपमैश्वरम् । यत् तद् भगवता प्रोक्तं पुरा केशव सौहृदात् । तद् सर्वं पुरुषव्याघ्र नश्टं मे भ्रश्टचेतसा ॥ मम कौतूहलं त्वस्ति तेष्वर्थेषु पुनः पुनः । भवांस्तु द्वारकां गंता नचिरादिव माधव ॥’’. देकून तो गीतोपदेश परत निरूपण करचाक सांगता

अर्जुनालि रणांगणा वयरचि मनस्थिति कृष्ण पूर्ण जाणतालो. पुण रणांगणा वयर एक असामान्य संवेदनेन निरूपण केलिलो शाश्वत, सनातन गूढ दैवी संदेश आशिल्लो – ‘‘श्राविस्त्वं मया गुह्यं ज्ञापितश्च सनातनम् । धर्म स्वरूपिणं पार्थ सर्वलोकांश्च शाश्वतं ॥’’, जो अर्जुनान निष्काळजीन ध्यान दीत नासताना श्रवण केलो ना – ‘‘अबुद्ध्या नाग्रहीर्यस्त्वं तन्मे सुमहदप्रियम् ।’’. पुण असादारण अवस्थेम्तु परमात्माले भूमीके वयल्यान निरूपण केलिलो आशिल्यान तो परत कृष्णाक तेचि संवेदनेअन सांगचे शक्य ना – ‘‘न च साद्य पुनर्भुयः स्मृतिमें संभविष्यति ॥ नूनमश्रद्धधानोऽसि दुर्मेधा ह्यसि पांडव । न च शक्यं पुनर्वक्तुमशेषेण धनंजय ॥ ... सो हि धर्मः सुपर्याप्तो ब्रह्मणः पदवेदने । न शक्यं तन्मया भूयस्तथा वक्तुमशेषतः ॥’’ म्हण्णुं फ़टकारायता.

कृष्णान हे तरेन स्पश्टीकरण दिवचाक कारण आसा, जें द्वारकेक वचत आसताना मार्गावयर मेळिले उत्तंक भार्गवाक ताणें सांगिल्लें आसा किं कौरव–पांडवांक समजावनुं तांगेले कुळाचें निर्मूलन तो राबोव शकलो ना कारण जरि परमात्मान ब्रह्म, विष्णु, शिव हे तीन आकारांतु माध्यम रूपान स्रिश्टि निर्मिति, संरक्षण आनि नाश करचें दायित्व स्वीकारिलें आसता तरियी जेन्नां तो देव, ऋशी, राजे आनि महामानवांले स्थूल पार्थीव शरीर माध्यम म्हण्णुं वापरता तेन्नां देवाले रूपांतु देवाले तरेन, गंधर्वाले रूपांतु गंधर्वा तरेन, नाग रूपांतु नागा तरेन, तेचि तरेन, यक्ष, राक्षस आनि अन्य रूप आकाराचे गुण स्वभावांक अनुरूप यम–नियम पालन करत वावुरता – ''अहं विष्णुरहं ब्रह्मा शक्रोऽथ प्रभवाप्य: । .. यद त्वहं देवयोनौ वर्तामि भृगुनंदन । तदाहं देववत् सर्वमाचरामि न संशय: । यदा गंधर्वयोनौ .. नागयोनौ .. यक्ष राक्षसयोन्योस्तु यथावद् विचराम्यहम् ॥''. वर्तमान काळांतु मनुष्यरूपान जन्म घेतिल्यान ताका मनुष्याले तरेन वावुरचें अपेक्षित आसता – ''मनुष्ये वर्तमाने तु कृपणं याचिता मया । न च ते जात संमोहा वचाऽगृह्णंत मे हितम् ।''.

परमात्माले अवतार कार्याचे स्पश्टीकरण जें व्यासांनि कृष्णाले माध्यमांतल्यान दिलें तें ताणिं अन्य माध्यमांतल्यान दिलिले स्पश्टीकरणां पेक्षा वेगळें आनि जास्त विस्तारान आसा. ध्यानांतु दवरका किं कृष्ण यदु कुळांतु क्षत्रिय गुण स्वभावान जन्म घेवनुं तत्कालीन सामाजिक आनि राजकीय कार्यक्षेत्रांतु एक प्रभावी मुत्सद्दि म्हण्णुं मान्य जालिलो. देकून जेन्नां व्यासांनि कौरव पांडवांले परस्पर संबंध आनि तांगेले अंतिम संघर्षाचे निरूपण करचें निश्चित केलें तेन्नां कृष्णान मध्यस्थ म्हण्णुं भौतिक पातळीवयर केलिलें कार्य कुशलता एक प्रभावी मनुष्य म्हण्णुं मात्र न्हंय तर अधार्मिक मनुष्यांलि भ्रश्ट जालिलि बुद्धि आनि प्रवृत्ति नाश करनुं थंय दुर्मेध, भ्रश्ट जालिलो अव्यययोग परत अध्यात्मिक पातळीवयर प्रस्थापित करचाक परमात्मालें ब्रह्म तेज, दैवी चैतन्य सृजन जालिलो योग्य, प्रभावी माध्यम म्हण्णुं, किंबहुना साक्षात् प्रब्रह्म म्हण्णुं तीन लोकांतु मान्य जालो.

ताका लागून कृष्ण देवकीलो पूत म्हण्णुं यादव कुळांतु जन्म घेतल्यारियी तागेलि गोकुळांतलि बाल क्रीडा, कंस, कालयवन, जरासंध, शिषुपाल, कौर्व आनि अन्य समाज कंटक दुश्टांलो विनाश केलिलें कर्तुत्व अध्यात्मिक पातळीवयर धर्म आनि समाजांतले नैतिक मूल्यांचे, संस्कारांचे पुनर्स्थापन करचें कार्य परमात्मालेंचि व्यापक आनि सखोल अध्यात्मिक पातळीवयलें कार्य म्हण्णुं मानचांतु आयलें.

कृष्णाक जीवनांतु कांयि सिद्ध करचें नाशिल्लें, कसलोयी सिद्धांत प्रस्थापित करचो नाशिल्लो. पुण सनातन अव्यय योगाचें ज्ञान–विज्ञान निरूपण करनुं मनुष्याक भौतिक पातळीवयल्यान अध्यात्मिक पातळीवयर जीवन विकसित, रूपांतर, परिवर्तन जावचाक मार्ग दाखोवचें अवकाश दिवचें आशिल्लें.

अर्जुनाक द्वापर युगांतु देवकीलो पूत कृष्न प्राप्त जालिलो आसल्यारियी द्वैपायन कृष्न व्यासांले अनौग्रहाक आनि संसाराचे सौभाग्याक लागून शतमानान शतामान संसारक उपलब्ध जावनुं आस. म्हणचांतु येता किं उच्छारचांतु आयिलो शब्द परत तेचि तरेन घेवचाक जायना. पुण उच्छारचांतु आयिले शब्दाचो अनाहत नादब्रह्म अवकाशांतु दरवळत आसता. परमात्मान पुरातन काळांतु सूर्याक दिलिलो सनातन अव्यययोग अनेक राजर्षीले हातांतल्यान हस्तांतर जाताना दुर्मेध, भ्रश्ट जालो पुण नश्ट जालो ना. जें नश्ट जायना तें परत प्राप्त करचाक शक्य आसता. देकून जो अव्यय योग परमात्मान देवकीपुत्र कृष्णालें प्राकृतिक शरीर माध्यम करनुं परत प्रस्थापित केलो तोचि कृष्णाले साकार रूप उपलब्ध नासल्यारियी कृष्णान निरूपण केलिलो अव्यय योगाचो संदेश व्यासांले ग्रंथरूपान उपलब्ध आसता. देकून जे तरेन रामा पेक्षा राम नाम श्रेष्ठ आसता ते तरेन कृष्णा पेख्या कृष्णाळो गीतोपदेश जास्त महत्वाचो आसा.

देकून तो अव्यययोग आत्मसात् जावचें आसल्यार मनुष्यालि संवेदन शक्ति तीक्ष्ण आसचाक जाय. अन्यथा तें गूढ रहस्य जे तरेन ऋचांतलें गूढ सत्य आत्मसात् जालें ना – ''ऋचो अक्षरे परमे व्योमन् यस्मिन् देवा अधि विश्वे निषेदु: । यस्तन्न वेद किं ऋचा अरिष्यति अय इत तद् विदुस् त इमे समासते ॥'' ते तरेन

गीतेंतलो गूढ रहस्य गीतेचें केवल पठण केलिल्यान आत्मसात् जावचें ना. अव्यय योग नवो ना किंवा पोरणो आसना, श्रीमन् नारायणालो हृदयांतु ओंकार रूपान तो नित्य निरंतर शुद्ध स्वरूपांतु स्पंदन जायत आसता.

मान्य करचाक जाय किं कृष्णाले निरसन केलिलें वचनांचे महत्व जितलें आसता तितलेचि महत्व अर्जुनान विचारिलो प्रश्न्यांचो आसता. कारण प्रश्नो संसारांतलो प्रत्येक मनुष्यालो आसाचि पुण प्रश्न्यांचो निरसन परमात्मालें आसता. जर अर्जुनान प्रश्ने विचारिल्लो नाशिल्लो तर कृष्णाले ज्ञान–विज्ञानाचें स्रोत संसाराक प्राप्त जावचो नाशील्लें. जें कृष्णाक दाखोवनुं दिवचें आशिल्लें तें दाखोवनुं जालें, जें शोधनुं जाणचऐं आसता तें जानून, समजून घेवचाक जाय. कारण प्रश्नो कुरुक्षेत्रचो रांगणा वयरचो संघर्ष न्हंय तर मनांतलो अहंकार, अज्ञान, मोहाक लागुन आपूण करता, आपूण मारता, आपण्यालो हातांतल्यान आपण्याले आप्त–बांधव, सगे–सोयरे मरताले म्हण्णुं निर्माण जालिलो संभ्रम आसता. संघर्ष प्रतिस्पर्धि नाश जालिल्यान सोंपता; संभ्रम अज्ञान आनि अहंकार मनांतल्यान समूळ उपटून काडिल्यान सोंपता. संसार सोडिल्यान संघर्ष सोंपना; अहंकार, मिथ्याभिमान सोडनुं संसार समजून स्वधर्म स्वीकारल्यार मनांतलें अज्ञान, संभ्रम आनि संसरांतलो संताप, संघर्ष सोंपतालो.

कुतूहलान गीतेचो अभ्यास सुरु केलो म्हण्णुं समाधान मेळतालो हेण् निश्चित ना; जिज्ञासाक लागून गूरूलो कडचान ज्ञान–विज्ञान प्राप्त जालें तर प्रकाश चारी दिशेन, सर्व दिशेन, सर्वत्र पसरनुं सवभावाक लागून् स्वधर्म जाणून स्वकर्म करचाक मार्ग सुरळीत जावचि शक्ता निश्चित आसरा. देकून जो तरेन बृहस्पतीन शब्द वेंचून वेंचून अज्ञात आशिल्ले वाक् समजून घेतलें – ''बृहस्पते प्रथमं वाचो अग्रे यत् प्रैरत नामधेयं दधानाः । यद् एषां निहितं गुहाविः ॥ सक्तूमिव तितऊना पुनंतो यत्र धीराअ मनसा वाचम् अक्रत । अत्रा सखायः सख्यानि जानते अद्रैषां लक्ष्मीः निहिताधि अवाचि ॥'' ते तरेन भगवंतान अशब्दांतल्यान अर्जुनाक निरूपण केलिलो सनातन अव्यय योग अंतःकरण शुद्ध, पवित्र, तरल, संवेदनशील आनि शेअद्धान्वित करनुं व्यासांनि शब्द वापरनुं विस्तारान सांगिल्लो गीता शास्त्रांतल्यान गूढ रहस्य शोधनुं, समजून आत्मसात् करचें अपेक्षित आसता.
आनि ते तरेन करचें शक्य आसल्यार व्यासांनि उघड करनुं दिलिले द्वारांतल्यान परमात्माले अक्षय स्थानाचें दर्शन जातालें हांतूत संशय आशचो ना.

ooooo

## नागेश द. सोंदे
## कोंकणी भाशेंतु बरयिलिं पुस्तकं

१. विष्णु आनि वैष्णव संप्रदाय.
२. उपनिषदांचे अवलोकन.
३. राधा माधव प्रणय प्रणालि.
४. कथा संगम.
५. श्री सूक्त – विवेचन.
६. श्री मध्वाचार्य – जीवन आनि विचार.
७. गणपति अथर्वशीर्ष – विवेचन.
८. कोंकणि भाशेचो इतिहास.
९. संत पुरंदरदास
१०. सारस्वतांलें भवितव्य
११. वैराग्य शतकम्
१२. विष्णु सहस्रनाम – विवेचन.
१३. भगवद् गीता संस्मरण – एक उपन्यास

## इंग्लिष भाशेंतलिं पुस्तकं

1. *Madhava's Commenteries on Isha & Kena Upanishad*
2. *Madhava's Commenteries on Katha Upanishad*
3. *Madhava's Commenteries on Mandukya Upanishad*
4. *Madhava's Commenteries on Bhagavad Gita*
5. *Narada's Aphorisms on Bhakti*
6. *Three Vedic Suktas A study*
7. *Sri Ramana Maharshi -*
8. *Upadesha Saram & Sat Darshnam*
9. *Philosophy of Sri Ramana Maharshi*
10. *Dakshinamurti Stotra – Manasollasa*
11. *Sri Sukta - A study*
12. *Sri Manik Prabhu - Life & Teachings*
13. *Ganapati Atharvasheersha A study*
14. *Dakshinatya Sarasvats*.
15, *Asmi –Buddha* and *Ramana Maharshi*
16 *Rigveda – Study of 40 Hymns*
17. *Sadhana Panchkam by Sri Shankara*
18. *Krishna – A study based on Mahabharata*



# कृष्ण

कृष्ण असलो एक महामानव असा जो धर्माचि ऊंचायी
आनि जीवनाचि सखोलता जाणता .

देकून सर्व अन्य अवतारांक आंशिक म्हळयारियी
तागेलो अवतार पूर्ण म्हण्णुं मानचांतु अयल्यां .

भगवद् गीता एक व्यक्तीलो संदश्श न्हांय,
तर चैतन्याचो एक क्षण एक दशा एक दिशा जावनुं
असा .

काळ बदलता समय बदलता प्रसंग बदलता
भाशा बदलता शब्दा बदलता अर्थ बदलता .
पुण गीता बदलना देकून संदेश बदलना .

अयजचे क्षणाक कृष्णालो सहवास जाय .
कारण मनुष्यालो अहंकार आनि अज्ञान वाढता आसा .
मनुष्याले हातांतु असामान्य ऊर्जा उपालब्ध आसा .
पुण असामान्य कृपा कारुण्य उपलब्ध ना .
ऊर्जा योग्य रितीन वापरलि ना  तर नरकाचि दिशा उघड
आसतालि .

समज न्हांय किं अर्जुनाक मात्र कृष्ण उपलब्ध अशिल्लो .
समज न्हंय अन्य जनांक तो उपलब्ध ना .
दर एक मनुष्याले काळजांतु भितर बसून कृष्ण
सारथी जावनुं सृजन करत असता .
आनि रथ जावनुं अमिं जीवन सृजन करनुं
प्रवास करचो असता .



ॐ

ऊर्ध्वमूलमधःशाखमश्चत्थं प्राहुरव्ययम् |
छन्दांासि तास्य पर्णानि यस्त्वं वेद स वेदवित् ||

अधश्चोर्ध्वं प्रसृतास्तस्य शाखा गुणप्रवृद्धा विषयप्रवालाः |
अधश्च मूलान्यनुसन्ततानि कर्मानुबन्धीनि मनुष्तालोके ||

न रूपमस्येह तथोपलभ्यते नान्तो न चादिर्न संप्रतिष्ठा |
अश्वत्थमेनं सुविरूढमूलमसङ्ग्गशस्त्रेण दृढेन छित्वा ||

ततः पदं तत्परिमार्गितव्यं यस्मिन्गाता न निवर्तन्ति भूयः |
तमेव चाद्यं पुरुषं प्रपद्ये यतः प्रवृत्तिः प्रसूता पुराणी  ||

*

मूळां वयर फांदे सकयल ताका अश्वत्थ गा म्हाळयां,
वेद ही पान तागेलिं तें जाणताचि श्रद्धेन कोणीं
जाणल्यां .
सकयल फुटताचि फांदे ताका  विशय वासनेचे
फुटताचि हे संसारांतु आंकरे अनेक बंध कर्मचे  .
तांगेले रूप दिसना हांगा  ताका आधार ना,
ना आदि ना अंतु .
थृढ पाळां अश्वत्थ रुखाचे वैराग्य शस्त्रान खांडितु .
घेवचो शोध मागिर ते पदाचो खंयचान येवचें ना परतून
प्रार्थितां ते आदि पुरूषाक  खंयचान जालो विश्वाचो
प्रसारु .

ह